ಚಾಬೂಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ

- ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊ, ಕಟಪಾಡಿ

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಚೊ ಬಾವೆಚಾಳಿಸಾವೊ ಬೂಕ್

AL FARIS

SPECIALISTS IN HEAVY LIFTING, HEAVY TRANSPORT & ENERGY SOLUTIONS

WITH THE LARGEST FLEET OF CRANES AND HEAVY EQUIPMENT IN THE MIDDLE EAST

OUR SNAPSHOT

- A legacy of 25+ Years in heavy lifting & heavy transport
- 2300+ Equipment in fleet
- 35+ Heavy equipment categories
- 10+ Corporate offices
- 1500+ Satisfied customers
- 3000+ Workforce
- 100+ Active sites everyday
- 5300+ Successfully completed projects

HEAVY LIFTING

HEAVY TRANSPORT

ENERGY SOLUTIONS

www.alfarisgroup.com

UAE: 800 CRANES/ 800 272637 **KSA:** 9200 CRANE/ 9200 27263

Dubai: info@alfarisuae.com, **Abu Dhabi:** info.ad@alfarisuae.com, **KSA:** sales@alfarisksa.com

ಚಾಬೂಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ

ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊ, ಕಟಪಾಡಿ

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್

ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಚೊ ಬಾವೆಚಾಳಿಸಾವೊ ಬೂಕ್

***'Chabuk Ani Her Kotha'** - collection of Konkani Shortstories written by Ronald Monteiro Katapady, edited, transliterated to Nagari by Valley Quadras and published by Ashawadi Prakashan, Mumbai.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition	:	2018
Copies	:	500
Cover	:	Ashawadi
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Pages	:	176+4
Price	:	Rs.200
ISBN	:	ISBN 978-81-937086-8-2 9 788193 708682

For complete details of Ashawadi Prakashan, visit

www.ashawadi.com or Email at **ashawadi@gmail.com**

ಮಾಂಡಾವಳ್

- ಸುರ್ವಿಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ 4
- ವಳೊಕ್ 5
- ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ 6
- ಅರ್ಪಣ್ 8

1. ಆಂಬೊಟ್ ದಾಕೊ 9
2. ಖಂಯ್ಸರ್ ಧಾಂವ್ಲಿ 15
3. ಚಾಬೂಕ್ 20
4. ಸಿಧ್ದಾಂತಾಂ 24
5. ಪ್ರೊಫೆಸಿ 31
6. ನಿಜೆವ್ 39
7. ಸಮಾಸಮ್ 46
8. ಟೇಬಲ್ ನಂಬರ್ 13 53
9. ಉದೆಂತಿಚೆಂ ಮೋಡ್ 60
10. ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್ 67
11. ಕಾಂಟೊ ಆನಿ ಫುಲ್ 75
12. ತೊ ವೀಲ್ 79
13. ಡಕಾಯಿತ್ 82
14. ಏಕ್ ಪಯ್ಣ್ 87

ಸುರ್ವಿಲಿಂ ದೋನ್ ಉತ್ರಾಂ

ಮೊಗಾಳ್ ವಾಚ್ಪ್ಯಾ,

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಟ್ವ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಂಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಜಮ್ಯಾಕ್; 'ಚಾಬೂಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ..' ತುಮ್ಚೆ ಮುಕಾರ್ ದವರುಂಕ್ ಭೋವ್ ಸಂತೊಸ್ ಭಗ್ತಾ.

ಪಾಟಿಂ ಪರ್ತುನ್ ಪಳೆತಾನಾ ಹೆಂ ಕಶೆಂ ಸಾಧ್ಯ್ ಜಾಲೆಂ? ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸವಾಲ್‌ಯೀ ಉದೆತಾ.

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಹಾಂವೆಂ ದೋನ್ ಪ್ರಮುಕ್ ಮಾನೆಸ್ತಾಂ ವಿಶಿಂ ದಾಂಬೂನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಪರಿಂ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕರುಂಕ್ ಫಾವೊ. ತಾಂಚೆ ವಿಣೆಂ ಹೆಂ ಕಾಮ್ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಅಸಾಧ್ಯ್ ಜಾತೆಂ. ತಾಂಚೆವಿಶಿಂ ಥೊಡಿಂ ಭಗ್ಣಾಂ ತುಮ್ಚೆ ಮುಖಾರ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಖುಶಿ ವರ್ತಾಂ. ವಲ್ಲಿಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಶೆತಾಂತ್ ಹೆಂ ನಾಂವ್ ನೆಣಾಸ್ಲೆ ಕೊಣ್‌ಯೀ ನಾಂತ್. ಸಭಾರ್ ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಧಿಂ ಎಕಾ ಪತ್ರಾರ್ ಪರ್ಗಟ್‌ಲ್ಲಿ ಮ್ಹಜಿ ಮಟ್ವಿಕಾಣಿ ವಾಚುನ್ ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಹಾಂವೆ ಜಿಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಹಳ್ಳೆಂತ್ಲೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಘರ್ ಸೊಧುನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೆಳುಂಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಘಡಿತ್ ಕೆದಿಂಚ್ ವಿಸ್ರೊಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಮ್ಹಜಿ ಕಥಾ ತಿತ್ಲ್ಯಾ‌ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ವಾಚಿಗಿ ಯಾ ನ್ಹಯ್ ತೆಂ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ನ್ಹಯ್ ಬಗರ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾ ಥಂಯ್ ಲ್ಹಾನ್ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ತಿ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಅಭಿರುಚ್ ಆನಿ ಅಭಿಮಾನ್ ಆಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ತಾಚ್ಯಾ ಶಿರಾಂ ಶಿರಾಂನಿ ವ್ಹಾಳ್ಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾಂತ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಕ್ ಹಿಚ್ ಏಕ್ ಗವಾಯ್ ಪುರೊ. ಮಧೆಗಾತ್ ಬರವ್ಪಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಸರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ನಿದೆಂತ್ಲೆಂ ಜಾಗವ್ನ್ ಪರತ್ ಬರಂವ್ಕ್ ಉತ್ತೇಜನ್ ದೀವ್ನ್ ಲಿಖ್ಣೆಚೆಂ ಭಿಂ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಕಿರ್ಲಾಶೆಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ಹಾಂವ್ ಜೀಣ್‌ಭರ್ ಆಭಾರಿ. ತಾಚ್ಯಾ 'ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಖಾಲ್' ಹೊ ಬೂಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೊ ಏಕ್ ಅಭಿಮಾನಾಚೊ ವಿಶಯ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಚ್ಯಾ ವಿನ್ಯಾಸಾಕ್, ಲಿಪಿಯಂತರಾಕ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲಿ ವಾಂವ್ಟ್ ಹಾಂವ್ ವಿಸ್ರೊಂಕ್ ಸಕ್ಚೊನಾ.

ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಂಚೊ ವಿಮರ್ಶಕ್ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಕಿಶೂ ಬಾರ್ಕುರ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ಲೆಂ ಅನ್ಯೇಕ್ ಮಹಾ ವೆಕ್ತಿತ್ವ್, ಕಥಾ ಯಾ ಕವಿತಾ. ಸಂಗೀತ್ ಯಾ ಗಾಯನ್! ತಶೆಂಚ್ ಇಲೆಕ್ಟ್ರೋನಿಕ್ ಮಾದ್ಯಮಾನಿ ಹಾಚೊ ಭೋವ್ ಮೊಟೊ ಪಾತ್ರ್. ಕಿಶೂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಚೊ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಯ್, ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆ ಥಾವ್ನ್ ಆಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಹರ್ಯೆಕಾ ಬರ್ಪಾಂಚೊ ತಾಣೆ ವಿಮರ್ಸೊ ಕೆಲಾ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ತರೀ ವಾಚುಂಕ್ ಯೋಗ್ಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಭಗ್ಲೆಂ ತರ್ ತಾಕಾ ಪ್ರಮುಕ್ ಕಾರಣ್ ಕಿಶೂ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಎಕಾ ಉತ್ರಾನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಹೆಂ 'ಭಿಂ' ವೊಂಪ್ಲಾಂ ತರ್ ಕಿಶೂನ್ ತಾಕಾ ಉದಕ್ ದೀವ್ನ್ ಪೋಸ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಲ್ಹಾನ್ ಮಾಪಾನ್ ತರೀ ಆಂಕ್ರ್ಯಾ ಫುಟೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭಗ್ತಾ.

ಉಪ್ಕಾರ್ ಮಾಂದ್ತಾಂ ತುಮ್ಚೊ; ಮಾನೆಸ್ತ್ ಆನಿ ಮಾನೆಸ್ತಿಣ್ ಹಿಲರಿ ಆನಿ ಲೊರ್ನಾ ಪಿಂಟೊ (ಅಲ್-ಫರಿಸ್ ಸರ್ಫೇಸ್ ಟ್ರಾನ್ಸ್‌ಪೋರ್ಟ್) ಹಾಚೆ ಮ್ಹಾಲಕ್ ತುಮಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಟ್ಯಾ ಪಾಟಿಂಬ್ಯಾ ಖಾತಿರ್. ತಶೆಂಚ್ ಮೊಗಾಳ್ ಈಶ್ಟ್ ಡೊಮಿನಿಕ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಕ್, ತಾಣಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಹಕಾರಾ ಖಾತಿರ್.

ಕಾಣಿಯೊ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಆತುರಾಯ್ ದಾಖಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪತಿಣ್ ಜ್ಯೋತಿ, ಪುತಾ ಡೇಲ್ ತಶೆಂಚ್ ಸರ್ವ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂಕ್‌ಯೀ ಹಾಂವ್ ಆಭಾರಿ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ, ಮುಖ್ಯ್ ಜಾವ್ನ್ ತುಮಿ ಮ್ಹ ವಾಚ್ಪಿ, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್ ಧರುನ್ ಉಭಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ತುಮ್ಚೊ ಬಾವುಡ್ತಾಂ. ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಪ್ರತಿಕ್ರಿಯೆಕ್, ಸಲ್ಹಾ-ಸುಚನಾಂಕ್ ಅತ್ರೆಗಾನ್ ರಾಕೊನ್ ಆಸ್ತಲೊಂ.

– ರೊನಿ ಮೊಂತೇರೊ, ಕಟಪಾಡಿ

[ಮಟ್ವಿ ವಳೊಕ್]

ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್ ಆನಿ ಕಾಣಿ

ಕಾಣಿ ಮ್ಹಜಿ ಪಯ್ಲಿ ಆವಡ್, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಪಣಾರ್ ಸಯ್ತ್ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೊ ವಾಚುನ್, ತಾಂತ್ಲಿ ಖಂಯ್ಚಿಯೀ ಕಾಣಿ ಚಡ್ ಆವಡ್ಲಿ ತರ್ ತ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಗಾರಾಕ್ ಸೊಧುನ್ ವೆಚಿ ಪಿಸಾಯ್ ಆಸ್ಲಿ. ಸೊಧುನ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂಗಾರಾಂ ಪಯ್ಕಿಂತ್ ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊ ಸಯ್ತ್ ಎಕ್ಲೊ. ಅಜೀಕ್ ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂಧ್ಲಿ ಗಜಾಲ್ ಹಿ.

ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್ ಸಯ್ತ್ ಏಕ್ ವೆಗ್ಳೊಚ್ ಸಂಸಾರ್ ರಚುಂಕ್ ಸಕ್ಚಿ ಶ್ಯಾಥಿ ಆಸ್ಚೊ ಕಲಾಕಾರ್. ಕಾಣಿಯೆಗಾರಾಚೊ ಸಂಸಾರ್‌ಚ್ ವೆಗ್ಳೊ ದೆಕುನ್ ತೊ ಸಂಸಾರ್ ಖಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲೆ ವಾಚ್ಪಿ ತ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಗಾರಾಕ್ ವಿಸರ್ನಾಂತ್. ವಾಚ್ಪ್ಯಾಕ್ ಎಕಾ ಥರಾಚೆಂ ಥ್ರಿಲ್/ಮನರಂಜನ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಶ್ಯಾಥಿ ರೋನಿ ಮೊಂತೆರೊಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂಕ್ ಆಸ್ಲಿ.

ರೊನಿ ಮೊಂತೇರೊ 1969 ಇಸ್ವೆಂತ್ ಕಟಪಾಡಿಂತ್ ಜಲ್ಮೊನ್, ಮುಳಾವೆಂ ಶಿಕಪ್ ಸಂಪವ್ನ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಕರ್ನಾಟಕ್ ಪಾಲಿಟೆಕ್ನಿಕಾಂತ್ ಕೆಮಿಕಲ್ ಇಜ್ನೆರಾಚೆಂ ಶಿಕಪ್ ಜೊಡುನ್, 'ಬೋಂಬೆ ಹೈ', 'ಒ. ಎನ್. ಜಿ. ಸಿ'ಚ್ಯಾ ತೆಲಾ ಸ್ಥಾವರಾಂನಿ ಕಾಮ್ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲ್ಲೊ ಹಳ್ತಾರ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕಾಣಿಯಾಂ ಶೆತಾಂತ್ಲೊ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಲೊ.

ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕಾಂಯ್ ಲಾಂಬ್ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ತೊ ಗಲ್ಫಾಂತ್, ಸಿರಿಯಾ, ಅಬುಧಾಬಿ ಆನಿ ಖತಾರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ತೆಲಾ ಕಂಪ್ಣೆಂತ್ ವಾವ್ರ್ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಹ್ಯಾ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಜಾಲ್ಲಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ತಾಂತ್ರಿಕ್ ಬದ್ಲಾವಣ್, ಮೊಬಾಯ್ಲಾಂ, ಫೇಸ್‌ಬುಕ್ ಅನಿ ವಾಟ್ಸಾಪಾನ್, ಸಂಪರ್ಕ್ ಚುಕ್ಲೆಲ್ಯಾ ಸಭಾರಾಂಕ್ ಎಕಾಮೆಕಾ ಸಂಪರ್ಕ್ ಕರ್ಚಿ ವಾಟ್ ತಯಾರ್ ಕೆಲಿ, ಅಶಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ 'ಕೊಂಕಣ್‌ಗಾರ್' ಪಂಗಡಾಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕಾಣಿಯೊ ಆನಿ ಕಾಣಿಯೆಗಾರಾಂ ವಿಶಿಂ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಭಾಸಾಭಾಸೆಂತ್ ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊ ವಿಶಿಂ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕರುನ್, ತಾಚೊ ಸಂಪರ್ಕ್ ಮಾಗ್ತಾನಾ ಕಿಶೂ ಬಾರ್ಕುರಾನ್ ತಾಚೊ ಸಂಪರ್ಕ್ ಕರುಂಕ್ ಮಜತ್ ಕೆಲಿ. ಅಶೆಂ ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊನ್ ಪರತ್ ಲಿಖ್ಣಿ ಹಾತಿಂ ಧರ್ಲಿ, ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿ ಖೂಬ್ ಜಿಣ್ಯೆ ಅನ್ಭೋಗ್ ಅನಿ ವಾಸ್ತವಿಕತಾ ಝುಳ್ತಾಲಿ. ತಾಚ್ಯೊ ಆಯ್ಲೆವಾರ್‌ಚ್ಯೊ ಕಾಣಿಯೊ ಪಯ್ಣಾರಿ.ಕೊಮ್‌ಚೆರ್ ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್.

ಸತ್ರಾ ವರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ ಪತ್ರಾಂನಿ ಬರವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂಕ್ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂನಿ ಇನಾಮಾಂ ಲಾಭ್ಲ್ಯಾಂತ್. 'ತಾಂಬ್ಡೊ ಮನಿಸ್' ಹಾಚಿ ಪಯ್ಲಿ ಕಾದಂಬರಿ ಬರಯ್ತಾನಾ ತಾಚಿ ಪ್ರಾಯ್ ಎಕುಣೀಸ್. ಹಿ ಕಾದಂಬರಿ ಪಂಚು ಬಂಟ್ವಾಳಾನ್ 'ಅಮರ್ ಪಬ್ಲಿಕೇಶನ್ಸ್' ಚೆರ್ ಪರ್ಗಟ್ ಕೆಲ್ಯಾ. ದುಸ್ರಿ ಕಾದಂಬರಿ 'ಝುಜ್' ಕುರೊವ್ ಪತ್ರಾಚೆರ್ ಪರ್ಗಟ್ ಜಾಲ್ಯಾ.

ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊನ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ಅನ್ಭೋಗ್ ಆನಿ ಶಿಕ್‌ಲ್ಲಿಂ ಲಿಸಾಂವಾಂ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಫುಡೆಂ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿ ವ್ಹಾಳೊನ್ ಯೇಂವ್ದಿ ಆನಿ ಹಾಚೊ ಭರ್ಪೂರ್ ಫಾಯ್ದೊ ಕೊಂಕಣಿ ಕಾಣಿಯಾಂ ಶೆತಾಕ್ ಲಾಭೊಂದಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಚ್ ಮ್ಹಜೆ ಆಂವ್ದೆ.

– ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್
[ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನ್]

ರೊನಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಾಣಿ......

1986 ಅಗೋಸ್ತ್.

ಮಂಗ್ಳುರ್ ಕರ್ನಾಟಕ ಪೊಲಿಟೆಕ್ನಿಕಾಕ್ ಭರ್ತಿ ಜಾವ್ನ್ ಕಾಂಯ್ ದೋನ್ ಮ್ಹಯ್ನೆ ಉತ್ರಾಲ್ಲೆ. ಬಾರ್ಕುರ್, ಶಿರ್ವಾ, ಶಂಕರಪುರ, ಪೆರ್ನಾಲ್, ಬೆಳ್ಮಣ್ ಗಾಂವ್ ಸೋಡ್ನ್ ಶ್ಹರಾಕ್ ಯೇವ್ನ್ ಹೊಸ್ಟೆಲಾಂತ್, ಪೇಯಿಂಗ್ ಗೆಸ್ಟ್ ಜಾವ್ನ್ ರಾವ್ತಲ್ಯಾ ಆಮ್ಚೊಚ್ ಏಕ್ ಪಂಗಡ್ ರುತಾ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಲೊ. ಆನಿ ಅಚಾನಕ್ ಏಕ್ ದೀಸ್ ಇಲ್ಲೊ ಶಿರ್ಪುಟೊಚ್, ಗೊರೊ ಗೊರೊ ಆನಿ ಆಕರ್ಶಿಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾಚ್ ಪ್ರಾಯೆಚೊ ಎಕ್ಲೊ ಕ್ಲಾಸಿಕ್ ಆಯ್ಲೊ. ಕಟ್ಪಾಡಿಚೊ, ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್, ರೊನಿ ಮೊಂತೆರೊ ಮ್ಹಣ್ ಕಳ್ಳೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಹಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಮಿ ತಾಕಾ ವಿಚಾರ್ಲೆಂ. "ಕೊಲೆಜ್ ಸುರು ಜಾವ್ನ್ ದೋನ್ ಮ್ಹಯ್ನೆ ಜಾಲೆ, ಎದೋಳ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಖಂಯ್ ಮಾತಿ ವಾವ್ರೊಂವ್ಕ್ ಗೆಲ್ಲೊಯ್?" ಆನಿ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ತಾಣೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ತಿ ಏಕ್ ಲಾಂಬ್ ಕಾಣಿ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಸುರುಕೆಲ್ಲೆಂ. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ತಾಚ್ಯಾ ಇಶ್ಟಾಂಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯಾಂಚೊ ಬರ್ಗೊಳ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ನಾಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಬೋರ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ನಾಂ. ರೊನಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಾಣಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ಂಚ್.

ಉಪ್ರಾಂತ್ಲಿ ಹೊಸ್ಟೆಲಾಂತ್ಲಿಂ ತೀನ್ ವರ್ಸಾಂ, ಮಾಗಿರ್ ಮುಂಬಯ್ತ್ ಬ್ಯಾಂಡ್ರಾ ಹಿಲ್ ರೋಡಾರ್, ಮ್ಯಾಂಗ್ಲೂರ್ ಮಿಲಾಗ್ರಿಸ್ ಕ್ಲಬ್, ಬ್ಯಾಂಡ್ ಸ್ಟ್ಯಾಂಡ್, ಯಾಟ್ ರೆಸ್ಟಾರಾಂ, ಗರ್ಘುಬೊ, ಲಿಂಕಿಂಗ್ ರೋಡ್, ಉಪ್ರಾಂತ್ ಉರಾನ್.. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಚಿಂ ಬೋವ್ ಮರ್ಘೋದಾರ್ ವರ್ಸಾಂ ತಾಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾಂತ್ ಸಾರ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾಂತ್ ತಾಚೆ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯೆಗಾರಾಕ್ ಹಾಂವೆ ದೆಕ್ಲಾಂ. ಕಾಣ್ಯೆಗಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಚಿ ವಾಡಾವಳ್ ಹಾಂವೆ ಪಾರ್ಕಿಲ್ಯಾ.

ಪಯ್ಲೆಂ ಹೊಸ್ಟೆಲಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಾಣ್ಯೊ ಸಾಂಗೊನ್ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಣೆಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕಾಣ್ಯೊ ಬರಂವ್ಕ್ ಸುರು ಕೆಲೆಂ. ತೊ ಹೊಸ್ಟೆಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಅಶೆಂಚ್ ಹಂಪನ್‌ಕಾಟ್ಯಾಕ್ ವಚೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರೀ ಏಕ್ ಚಾರ್ ಕಾಣ್ಯೊ ತರೀ ಆಸ್ತಲ್ಯೊ. ಆಮ್ಕಾಂ ಕಾಂಯ್ ವಿಶೇಸ್ ದಿಸಾನಾಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಸಂಗ್ತಿನಿಂ ಆನಿ ಘಡಿತಾನಿಂ ತಾಕಾ ಕಾಣಿಯೊ ದಿಸ್ತಲ್ಯೊ. ರಾಕ್ಣೊ ಆನಿ ಕಾಣಿಕ್ ಆನಿ ಝೆಲೊ ಪತ್ರಾರ್ ತಾಚ್ಯೊ ಕಾಯಾಮ್ ಕಾಣ್ಯೊ ವ್ಹಾಳೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯೊ. ಸಾಹಿತಿಕ್ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾನಿಂ ಇನಾಮಾಂಯ್ ಕಾಯಂ ಜಾಲಿಂ. ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಏಕ್ ಫ್ರೇಮ್ ಘಾಲ್ನ್ ದೆಕ್ಚಿ ಆನಿ ಪಾರ್ಕುಂಚಿ ಸಕತ್ ತಾಕಾ ತವಳ್‌ಚ್ ಆಪ್ಲೆಸ್ತಕಿಂ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ತವಳ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್, ಬೋವ್‌ಶ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂಚೊ ಪಯಿಲ್ಲೊ ವಾಚ್ಪಿ ಹಾಂವ್‌ಚ್. ತವಳ್‌ಚ್ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ದೋನೀ ಕಾದಂಬರೆಂಚೊ (ತಾಂಬ್ಡೊ ಮ್ಹನಿಸ್ ಆನಿ ಝುಜ್) ಮುಖ್‌ಪಾನಾಂಚೊ ಚಿತ್ರಕಾರ್‌ಯ್ ಹಾಂವ್‌ಚ್. ತಾಚಿ ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಹಿ ಸಳಾವಳ್ ಜಾಣಾಸೊನ್‌ಂಚ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಹಿಂ ಸುರ್ವಿಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಬರಂವ್ಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ದಿಲಾ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಚಿಂತಾಂ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಪಾಸತ್ ವಲ್ಲಿಕ್ ಆನಿ ರೋನಿಕ್ ಮ್ಹಜೆ ದಿನ್ವಾಸ್.

ಹೊಸ್ಟೆಲಾಂತ್ ಆಮ್ಚೊಚ್ ಏಕ್ ಪಂಗಡ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ ತರೀ ಮ್ಹಜಿ ಆನಿ ರೊನಿಚಿ ಇಶ್ಟಾಗಾತ್ ಇಲ್ಲಿ ಚಡ್‌ಚ್ ದಾಟ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಕಾಣಿ, ಕಾದಂಬರಿ ಆನಿ ಸಿನೆಮಾ ತಸಲ್ಯಾ ಸಂಗ್ತಿನಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಆಸ್ಲ್ಲಿ ಚಡಿತ್ ಉತ್ಸುಕಾಯ್ ಆನಿ ಆಸಕ್ತ್. ವಾಚ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬುಕಾಂವಿಶಿಂ ಚರ್ಚಾ, ಸಾಂಗಾತಾಚ್ ಸಿನೆಮಾ ಪಳೆಂವ್ಚೆಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಉಲಂವ್ಚೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಸಂದೆಚೆಂ. ಆನಿ ತವಳ್‌ಚ್ ತಾಣೆಂ ಕಾಣಿಯೊ ಬರಂವ್ಕ್ ಸುರ್ವಾತ್ಲೆಂ.

ತಾಚ್ಯೊ ಸುರ್ವಿಲ್ಯೊ ಕಾಣಿಯೊ, 'ಕಾಂಟೊ ಆನಿ ಫೂಲ್', 'ತೊ ವೀಲ್', 'ಫಾರಿಕ್ಪಣ್', 'ಏಕ್ ಪಯ್ಣ್', ತಸಲ್ಯೊ ಕಾಣಿಕ್, ಝಿಲೊ ಪತ್ರಾನಿಂ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಯೊ, ತವಳ್ ಫಾಯ್ಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಹೆರಾಂ ಕಾಣಿಯಾಂ ಶಯ್ಲೆಪ್ರಾಸ್ ವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಆನಿ ಕುರ್ಕುರಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಯೊ. ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಬರಯಿಲ್ಯೊ ತ್ಯೊ ಆತಾಂ ವಾಚ್ತಾನಾಂ ವಿಶೇಸ್ ಮ್ಹಣ್ ಭೊಗ್ಚ್ಯೊನಾಂತ್. ಪೂಣ್ ತವಳ್ಚ್ಯಾ ಪರಿಗತೆಂತ್ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ತವಳ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂಚೆರ್ ಆಪ್ಲಿ ಮ್ಹೊರ್ ಮಾರುಂಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಯೊ. ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾನಿಂ ಇನಾಮಾಂ ಆಪ್ಣಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಯೊ. ತೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿಂ ಸಂಸಾರಾರ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಆನಿ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಣಿಯಾಂಶೆತ್‌ಯ್ ಪುರ್ತೆಂ ಬದಲ್ಲಾಂ. ಆನಿ ಹಾಂಗಾಸರ್‌ಯ್ ಜಾಯ್ತೊ ವ್ಹಾಳೊ ವಾಳ್ಳಾ ಆನಿ ತ್ಯಾ ವ್ಹಾಳ್ಯಾತೆಕಿತ್ ರೋನಿಚ್ಯೊ ಕಾಣಿಯೊ ಬದ್ಲೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್. ಶಯ್ಲಿ ಬದಲ್ಲಾ, ವಿಚಾರ್ ಬದಲ್ಲ್ಯಾತ್ ಆನಿ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ವಾಡೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ರೊನಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿಂಯ್ ವಾಡೊನ್ ರಾವ್ಲಾ. ಸುರ್ವಿಲ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿಂ ಕಾಲ್ಪನಿಕ್ ಸನ್ನಿವೇಶಾಂ ಚಡಿತ್ ಆಸ್ತಾನಾಂ ಆಯ್ಲೆವಾರ್ ತಾಣೆಂ ಬರಯಿಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿಂ ತಾಚೊ ಜಿಣ್ಯೆ ಅನ್ಭೋಗ್ ಖೂಬ್ ದಿಸ್ತಾ. ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಕಡೆಂಚ್ ಉರೊನ್ ಮಡ್ಡಿ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾಂ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ತಶೆಂ ಕಾಣ್ಯಾನಿಂ ತೊ ಅಪ್‌ಗ್ರೇಡ್ ಜಾಯೀತ್ ಆಯ್ಲಾ ತೆಂ ಕಳ್ತಾ.

ಪೂಣ್ ಹ್ಯಾ ವಾಡಾವಳೆಂತ್‌ಯ್ ಏಕ್ ಬೊರಿ ಕಾಣಿ ಕಶಿ ಆಸಾಜೆ ಮ್ಹಳ್ಳೆವಿಶಿಂಚಿ ಟೆಕ್ಸ್ಟ್‌ಬುಕ್ ರೆಗ್ರೊ ತೊ ಶಿಸ್ತೆನ್ ಪಾಳ್ನ್ ಆಯ್ಲಾ. ಏಕ್ ಉತ್ಸುಕಾಯೆಚಿ ಸುರ್ವಾತ್, ಗುಮಾನ್ ವೊಡ್ನ್ ದವ್ರುನ್ ಫೇಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಚೆಂ ಬಿಲ್ಡ್‌ಅಪ್ ಆನಿ ವಾಚ್ಪ್ಯಾನ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕುತೂಹಲ್‌ಭರಿತ್ ಅಂತ್ಯ ತಾಚ್ಯಾ ಹರ್‍ಯೇಕ್ ಕಾಣ್ಯೆಂತ್ ತಾಣೆಂ ಸಾಂಭಾಳ್ಳಾಂ. ಸುರ್ವೆಚ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯಾನಿಂ ಥೊಡೆಗಡೆಂ ಹೆಂ ಜಬರ್‌ದಸ್ತೆನ್ ಕೆಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಭೊಗ್ತಾ ತರ್, ಆಯ್ಲೆವಾರ್ಚ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾನಿಂ ಹಾಚೆರ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ನಿಯಂತ್ರಣ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆ ಅನ್ಭೋಗಾನ್ ತಾಕಾ ದಿಲಾಂ.

ಹಾಂವೆ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಬರಿಂ ತಾಕಾ ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಫ್ರೇಮ್ ಘಾಲ್ನ್ ಪಳೆಂವ್ಚಿ ತಾಕತ್ ಆಸಾ. ಹೆರಾಂಕ್ ಕಾಂಯ್ ನಂಯ್ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸ್ಚ್ಯಾ ಸಂಗ್ತಿನಿಂ ತಾಕಾ ಕಾಣಿಯೊ ದಿಸ್ತಾತ್. ಉರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಂಯ್ ಭೊಗಾನಾಸ್ಚ್ಯಾ ಸಂಗ್ತೆಂತ್ಲೆ ವೆಗ್ಳೆಂಪಣ್ ತೊ ಪಾರ್ಕಿತಾ ಆನಿ ತ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಕಾಂಯ್ ಶೆರ್ಮಾಂವ್ ಸಾಂಗ್ಚೆ ಬದ್ಲಾಕ್ ತೊ ಆನಿ ಏಕ್ ಕಾಣಿ ಬರಯ್ತಾ ಆನಿ ವಾಚ್ತೆಲ್ಯಾಕ್ ಶೆರ್ಮಾಂವಾಪ್ರಾಸ್ ಕಾಣಿ ಚಡ್ ಸಮ್ಜಾತಾ. 'ಖಿರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ, ಖಿರ್ಸಾಯ್' ಹ್ಯಾಚ್ ಥರಾಚಿ ಏಕ್ ಕಾಣಿ.

'ಆಂಬೊಟ್ ದಾಕೊ' ಹ್ಯಾ ಪೆಳ್ಯಾಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಸ್ತ್ ಆಂವ್ಡ್‌ಲ್ಲಿ ಕಾಣಿ. ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ದೇಸಾಂನಿ ತರೀ ಹಾಂವ್ ಆನಿ ರೊನಿ ಎಕಾಚ್ ಥರಾಚ್ಯಾ ಶೆತಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಾಂವ್. ಹ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಂತ್ ರೊನಿ ಆಪ್ಣಾಕ್‌ಚ್ ಆನಿ ಆಪ್ಣಾಬರಿಂಚ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಹೆರಾಂಕ್ ಆಸ್ಯೆತಾಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹಂಕಾರ್ ಆನಿ ಭೊಗ್ಚ್ಯಾ ಆಪ್ಲೆಂಪಣಾಚೆರ್ ಎಸಿಡ್ ವೊತ್ತಾ ಆನಿ ತೆಂ ಕರ್ಘುನ್ ಸೊಡ್ತಾ. ಆಮ್ಚೊ ಹಂಕಾರ್ ಆನಿ ದವ್ಲತ್ ಕಿತ್ಲಿ ಹಾಸ್ಯಾಸ್ಪದ್ ತೆಂ ಬೋವ್ ಮಾರ್ಮಿಕ್ ರಿತಿರ್ ದಾಗೂನ್ ದವರ್ತಾ. ಕಾಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಸುರ್ವೆರ್ ಹರ್ಧೆಂ ಫುಲಂವ್ಕ್ ಸುರುಕೆಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ, ಕಾಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಅಖೇರಿಕ್ ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಗೂಂಡಾಯೆಕ್ ಶೆವ್ಡಾಯ್ಲೆಂ ತೆಂ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಕಶ್ಟ್. ಥೊಡ್ಯಾ ದಿಸಾಂಕ್ ತರೀ ಮ್ಹಾಕಾ ಅಸ್ವಸ್ಥ್ ಕೆಲ್ಲಿ ಕಾಣಿ.

ಹ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಬರಿಂ ಬರ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯೆಗಾರಾನ್ ಪಾಳಿಜೆ ಜಾಲ್ಯೊ ರೆಗ್ರೊ ರೊನಿ ಆಲ್ತಾರ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಬರಿಂ ಪಾಳ್ನ್ ಆಯ್ಲಾ. ತಶೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಚಿ ಖಂಯ್ಚೀಯ್ ಕಾಣಿ ಪಿ ಬರಿ ನಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಕಾಡ್ನ್ ಉಡಂವ್ಕ್ ಜಾಂವ್ಚಿ ನಂಯ್. ತಾಣೆಂ ಬರಯಿಲ್ಯೊ ಪೂರಾಯ್ ಕಾಣ್ಯೊ ಹ್ಯಾ ಪೆಳ್ಯಾಂತ್ ನಾಂತ್. ವಲ್ಲಿನ್ ಖುದ್ ಸೊಧುನ್ ಆನಿ ಕಾಂಯ್ 'ಟೇಬಲ್ ನಂಬರ್ 13' ತಸಲ್ಯೊ ಕಾಣಿಯೊ ರೊನಿನ್ ಪರತ್ ಬರವ್ನ್ ಹೊ ಪೆಳೊ ಆಯ್ತೊ ಜಾಲಾ. ತೊ ಸಂಯ್ಯಾನ್ ಕಾಣ್ಯೆಗಾರ್. 'ಥ್ರಿಲ್ಲರ್' ಕಥಾಕಾರ್. ಚಡಿತ್ ಹಾಂವೆ ಕಾಂಯ್ ಸಾಂಗಾಜೆ ಮ್ಹಣ್ ನಾಂ ತೆಂ ಹ್ಯೊ

ಕಾಣಿಯೊ ವಾಚ್ತಾನಾ ತುಮ್ಕಾಂಚ್ ಕಳ್ತೆಲೆಂ.

ಪೂಣ್ ಹ್ಯಾ ರೆಗ್ರಾಂವಿಣೆಂಯ್ ಬರ್‍ಯೊ ಕಾಣ್ಯೊ ಬರವ್ಯೆತ್ ತೆಂ ಬದ್ಲುನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಸಂಸಾರಾಂತ್, ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಭಾಸಾಂನಿಂ, ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸ್ತಾ. ಜಯಂತ್ ಕಾಯ್ಕಿಣಿ, ಎಚ್ಚೆಮ್ ಪೆರ್ನಾಳ್, ಎಂಟನಿ ಬಾರ್ಕುರ್, ತಸಲ್ಯಾನಿಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ *Open ended* ಮಟ್ವ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿಂ ಏಕ್ ನವ್ಯೊಚ್ ಪ್ರಾಕಾರ್ ರುತಾ ಕೆಲಾ. ರೋನಿನ್ ಹ್ಯಾ ಪ್ರಾಕಾರಾಚೋಯ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂನಿ ಕರ್ಚೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್/ವಾಚುಂಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ತರೀ ಜಬ್ರೋರ್ ಆಶಾ.

ಹ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಪೆಳ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ವಲ್ಲಿಚೊ ಕಿತ್ಲೊ ವಾವ್ರ್ ಆಸಾ ತೊ ಬೋವ್‌ಶ್ಯಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಕೊಣಾಯ್ಕೀ ಅಂದಾಜ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ವಲ್ಲಿ ಆನಿ ತಾಚೊ ಖಿಳ್ಮಿತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಿಸಾಂವ್, ತಾಚೆಂ *Never say die attitude* ಮ್ಹಾಕಾ ಅಜ್ಯಾಪ್ ಕರ್ತಾ. ಆನಿ ಅಸಲಿಂ ಕಾಮಾ ತೊ ಎಕ್ಲೊ ಮಾತ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ತಾ.

ರೋನಿಚ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯಾಂಚೊ ಬೂಕ್ ಕಿತ್ಲ್ಯಾಗೀ ವರ್ಸಾಂಪುಡೆಂಚ್ ಯೇಜೆ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಥೊಡ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಹಾಂವೇಯ್ ಹ್ಯಾ ದಿಶಿಂ ಪ್ರೇತನ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ನಂಯ್ ತರೀ, ಮ್ಹಜ್ಯಾಚ್ ಚುಕಿಬರಿಂ ರೊನಿನ್ ಜಮೊ ಕರ್‍ನ್ ದಿಲ್ಲ್ಯೊ ಸರ್ವ್ ಕಾಣಿಯೊ ಹಾಂವೆ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಘೆತ್ಲ್ಯೊ. ಪೂಣ್ ಆತಾಂ ಫಳಾಯೆನ್ ತರೀ, ರೋನಿಚ್ಯಾ ಕಾಣ್ಯಾಂಚೊ ಹೊ ಪೆಳೊ ಛಾಪ್ಯಾಕ್ ವೆತಾನಾಂ, ಗುಪಿತ್ ಧೊಸುನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಏಕ್ ಕಾಂಟೊ ಕಾಡ್ನ್ ಉಡಯಿಲ್ಲೊ ಆನಿ ಏಕ್ ಅಧುರೆಂ ಸಪಣ್ ಸಾಕಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ಸುಶೇಗ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾ ಆನಿ ರೊನಿಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಫುಡ್ಲದ್ ಕಾಣ್ಯಾಂ ಪೆಳ್ಯಾಚೆ ಪರ್ಬಿಂ ಪಾಟಯ್ತಾನಾ, ಪರತ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಲ್ಲಿಕ್ ದಿನ್ವಾಸ್ತಾಂ.

ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ.

– ಕಿಶೂ, ಬಾರ್ಕುರ್.
07.11.2018
ಅಬುಧಾಬಿ.

ಅರ್ಪಣ್

ದೆ। ಬಾಸಿಲ್ ಲಾರೆನ್ಸ್ ಮೊಂತೇರೊ

ಅಲಿಸ್ ಮೊಂತೇರೊ

ಧನ್ಯಾ ದೆವಾಕ್ ಅರ್ಗಾಂ ದೀವ್ನ್ ಮ್ಹಜೊ ಹೊ ಪಯ್ಲೊ ಮಟ್ವ್ಯಾ ಕಾಣಿಯಾಂಚೊ ಜಮೊ **'ಚಾಬೂಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ'**, ಅಪ್ಲ್ಯಾ ತರ್ನ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಅಂತರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಪಪ್ಪಾಕ್ ತಶೆಂಚ್, ಕಶ್ಟಾಂನಿ ತರೀ ಬರೇ ರಿತಿರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬರೆಂ ಶಿಕಪ್ ದೀವ್ನ್ ಭದ್ರ್ ಫುಡಾರ್ ಭಾಂದುಂಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಯ್ಕ್, ಮೊಗಾಚೆ ಕಾಣಿಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಸವೆಂ ಅರ್ಪಣ್ ಕರ್ತಾಂ.

– ರೊನಿ ಮೋಂತೇರೊ, ಕಟಪಾಡಿ.

ಆಂಬೊಟ್ ದಾಕೊ

ವಿಮಾನ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಖೊಟ್ ಮಾರುನ್ ವ್ಹಡಾ ಆವಾಜಾನ್ ವಾಯ್ರಾರ್ ಉಬೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲ್ಲೆಂ, ತೆತ್ತಿಸ್-ಪಾಂತ್ತಿಸ್ ಹಜಾರ್ ಫುಟಿ ವಯ್ರ್ ಆಮಿಂ ಉಬ್ತಾಲ್ಯಾಂವ್. ಸುಮಾರ್ ಸಾಡೆತೀನ್ ವೊರಾಂಚಿ ಆಮ್ಚಿ ಉಬ್ಣಿ ಆಸ್ತೆಲಿ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಖಾಣ್-ಪಿವನ್ ಮೆಳ್ತೆಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಗಗನ್ ಸಖಿನ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ವಿವರ್ ದಿಲ್ಲೊ. ಟ್ರೈಲ್ವಿಂಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕುಮ್ಕೆಚೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ನಿಗದಿತ್ ವೆಳಾಚಾಕೀ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಆಮಿಂ ಪಾವ್ತೆಲ್ಯಾಂವ್ ಮ್ಹಣ್ ಕ್ಯಾಪ್ಟನಾನ್ ಕೊಕ್ಪಿಟಾ ಥಾವ್ನ್ ಉಲೊ ದಿಲ್ಲೊ.

ಸೀಟ್ಬೆಲ್ಟ್ ಕಾಡ್ಚೊ ಸಂಕೆತ್ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾತಾಚ್ ಹಾಂವೆ ಗಗನ್ ಸಖಿಕ್ ಉಲೊ ಮಾರ್ಲೊ.

"ಎಕ್ಸ್ಕ್ಯೂಜ್ ಮಿ ಮೆಡಮ್. ಡಬ್ಬಲ್ ಪೆಗ್ಗ್ ಒನ್ ದ ರೊಕ್ಸ್". ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಿಶ್ಯಾಯ್ರಾಕ್ ಪಾಳೊ ದೀವ್ನ್ ತಿಣೆ ಜಾಗೊ ಖಾಲಿ ಕೆಲೊ. ಥೊಡ್ಯಾಚ್ ಘಡಿಯಾನಿಂ ಮ್ಹಜೆ ಸಾಮ್ಕಾರ್ ವಿಸ್ಕೆಚೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಆಯ್ತೊ ಜಾಲ್ಲೊ. ಹಾಂವ್ ಸರಾಗ್ ಪಯ್ಣ್ ಕರ್ಚೊ ವ್ಯಕ್ತಿ ಮ್ಹಣ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ತಿಕಾ ಚಡ್ ವೇಳ್ ಲಾಗ್ಲೊ ನಾ.

"ತೀನ್ ಪೆಗ್ಗ್ ಓನ್ ದ ರೊಕ್ಸ್, ಆನಿ ಏಕ್ ಮಟ್ವಿ ನೀದ್, ದೊಳೆ ಉಗ್ತೆ ಕರ್ತಾನಾ... ಮುಂಬಯ್. ಮತಿಂತ್ಚ್ ಗುಣ್ಗುಣ್ಲೊ ಹಾಂವ್, ಪಾಂಯ್ಶಿಂ ವಯ್ರ್ ಉಬ್ಲ್ಯೊ....!!! ಚಿಂತುನ್ ಆನ್ಯೆಕ್ ಘೊಟ್ ಮಾರ್ಲೊ.

ಮಂದ್ ಹಾಸೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವೊಂಟಾ ಮಧೆಂ ಉದೆಲ್ಲ್ಯೊ. ಸ್ವಾಭಿಮಾನಾನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಹರ್ದೆಂ ಫುಲೊನ್ ಯೆತಾ ತಸೆಂ ಭಗ್ಲೆಂ. ಹಜಾರೊ ಫುಟಿಂ ವಯ್ರ್ ಉಬ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜೆ ದೊಳೆ ದರ್ಣಿರ್ ಚರ್ಲೆ. ಅಂತ್ರಾಳಾ ಥಾವ್ನ್ ಜಿಳ್ಮಿಳ್ಚಿ ಅಭುದಾಭಿ ಶಹರಾಚೆ ವೀಜ್ ದಿವೆ ಕ್ರಮೇಣ್ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾತಾನಾ, ಗಲ್ಫಾಚ್ಯಾ ದರ್ಯಾ ತೆಪ್ರಿಂ ಪಾವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂವ್.

ಶಾಂತ್ ಸಾಗೊರಾ ಮಧೆಂ ಥ್ರೆಂ ಥ್ರೆಂ ಉಭಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತೆಲಾಸ್ಥಾವರಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಉಜ್ಯಾ ಜಿಬೊ ನಿರಂತರ್ ಉಜ್ವಾಳ್ತಾಲ್ಯೊ. ಭಂವ್ತಿ ಏಕ್ ಉಜ್ವಾಡಾಚೆಂ ವರ್ತುಲ್ ರುತಾಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ವರ್ತುಲಾ ಭಿತರ್ ಉದೆವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ದರ್ಯಾಚಿಂ ಲ್ಹಾರಾಂ ದುದಾಚ್ಯಾ ಝುರಿ ಬರಿಂ ದಿಸ್ತಾಲಿಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಉಜ್ಯಾಚ್ಯಾ ದಿವ್ಟೊಣಿ ಪಂದಾ ವೀಜ್ ದಿವ್ಯಾಂ ಸಂಗಿ ಝಿಳ್ಮಿಳ್ಚ್ಯಾ ಹಳ್ದುವ್ಯಾ ರಂಗಾಚ್ಯಾ ಪಾಯ್ಚಾನಿಂ. ಬರಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಅಸ್ಪಷ್ಟ್ ಅಕ್ಶರಾಂಕ್ ಸೊಧುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊಂ. ಹಾಂವೆಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಘಟಕಾಕ್ ಸೊಧ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಸುಫಳ್ ಜಾಲೆನಾಂ. ವೊಂಟಾ ಮಧೆಂ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾಸ್ಯಾಂ ಮಧೆಂ ಅಭಿಮಾನ್ ಮ್ಹಜೊ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ.

"ತೆವೀಸ್ ಲಾಂಬ್ ವರ್ಸಾಂ"...... ವಿಸ್ಕೆಚೊ ದುಸ್ರೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಹಾಂವೆಂ ಖಾಲಿ ಕೆಲ್ಲೊ. ಲಗ್ನಾಗ್ ಎಕಾ ಮಹಿನ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಘೆಂವ್ಚ್ಯಾ ವಿಸ್ಕೆಚ್ಯಾ ಪರ್ಮಳಾಕ್ ನಾಕಾಚಿಂ ಫುಡಾಂ ರೂಂದ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಬರಿಂ ಭಾಸ್ ಜಾಲೆಂ. ಲಾಂಬ್ ಕಾಳಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೆಂ ಪೀವನ್ ಜಾಲ್ಲೆ ವರ್ಸಿಂ ತಾಳಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಪೊಟಾಕ್ ದೆವೊಂಕ್ ಥೊಡೆ ಕಷ್ಟ್ ಭಗ್ಲೆ ತರೀ ಎಕಾ ಮಹಿನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸುಟ್ಕೆಚೊ ಆನಂದ್ ಭಗ್ಲೊ. ಹ್ಯಾ ತೆವಿಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಜಾಯ್ತಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಲಿ...

ಕಂಟ್ರೋಲ್ ರೂಮಾಂತ್ ಬಸೊನ್ ಹಜಾರೊಂ ಫುಟಿಂ ಧರ್ಣಿ ಪಂದ್ಲ್ಯಾ ಕಚ್ಚ್ಯಾ ತೆಲಾಕ್

ಭುಂಯ್ಖೆರ್ ಹಾಡ್ಚೆಂ ಕಾಮ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹೆಲಿಕೊಪ್ಟರಾರ್ ಭಂವ್ಚೆಂ ಇತ್ಲೆಂ ಸದಾಂಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಕೀ ಗಾಂವಾಂತ್ ತಿತ್ಲೆಂ ಹಾಂವ್ ರಿಕ್ಷಾರ್ ಪಯ್ಣಾಂತ್ ಬಸ್‌ಲ್ಲೊಂ ನಾಂ. ವಯರ್ಲೆಸ್ ಗಾಂವಾಂತ್ ಪೊಲಿಸಾನಿಂ ಮಾತ್ರ್ ಉಪ್ಯೊಗ್ ಕರ್ಚೆಂ ಪಳೆಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಆಮ್ಚೆಂ ಸದಾಂ ವಾಪಾರ್ಚೆಂ ಪ್ರಮುಖ್ ಸಾಧನ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಜೆವ್ಣಾಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಸಾಂಗ್ಚಿ ಬರಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಗಾಂವ್ಚೊ ಲೋಕ್ ನಶಿಬ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಖಂಡಿತ್ ಬರೆಂ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಾಲೆ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಣ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರ್ ಬುದ್ವೊಂತ್ಕಾಯ್ ಆನಿಂ ಘಟ್ಟ್ ಮಿನ್ನತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ಖೆಳ್ಳೆಂ. ನಾಂ ತರ್ ಸೆಜಾರ್ಚೊ ವಿಕ್ಟರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವರ್ನಿಂ ಚಡ್ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ ತರಿ ಆಜ್ ಇಲೆಕ್ಟ್ರಿಶಿಯನ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಶ್ರೀಕಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪ್ರಾಸ್ ಹುಶ್ಯಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಪ್ರಕಾಶ್ ಕಾಮತ್ ಆಜ್ ಆಂಗ್ಡಿ ಬಸೊನ್ ತಾಂದುಳ್ ಮೆಜ್ತಾಲೊ. ಸಕ್ಕಡ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂ ಪ್ರಾಸ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಯ್ಕಾಲ್ ಶಿಕ್‌ಲ್ಲೊ ಸುರೇಶಾ ಆಜ್ ವಾಯ್ನ್ ಶೊಪಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಾಲೊ. ತೆ ಸರ್ವ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನಶಿಬಾಕ್ ದುಸ್ರ್ತಾಲೆ.

ವಿಕ್ಟರ್, ಪ್ರಕಾಶ್ ಆನಿ ಸುರೇಶಾ ಹೆ ತೇಗ್ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಯ್ ಸಭಾರ್ ಮ್ಹಜೆ ಕ್ಲಾಸ್ಮೇಟ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಕೊಣೆ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪ್ರಾಸ್ ಮುಖಾರ್ ಪಾವೊಂಕ್ ನಾಂತ್, ಚಡ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಡಿಗ್ರಿ ಕರ್ನ್ ಮಾಧ್ಯಮ್ ವರ್ಗಾಚ್ಯಾ ಅಫಿಸಾನಿಂ ಕಾಮಾಕ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೆ.

ಆನಿ ಹಾಂವ್... ಅಂತರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ತೆಲಾ ಕಂಪೆನಿಂತ್ ಕಾಮಾಕ್ ಪಾವ್ಲೊಂ.... ಕೋಣ್‌ಗೀ ಶಾಭಸ್ಕಿ ದೀವ್ನ್ ಮ್ಹಜಿ ಪಾಟ್ ಥಾಪುಡ್ತಾ ತಸೆಂ ಭಗ್ಲೆಂ. "ಧರ್ಣಿರ್ ನಾಂ ತೊ. ತಾಕಾ ಪಯ್ಸ್ಯಾಂಚಿಂ ರೂಚ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾಂತ್" ಅಶೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯೆ ವಿಶಿಂ ಉಲಂವ್ಚೆಂ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲೆಂ ಹಾಂವೆಂ.

ಹಾಣಿ ಕಿತ್ಲಿಂ ಉಡ್ಕಾಣಾ ಘಾಲ್ಯಾರೀ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬರಾಬರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಹ್ಯಾ ಜಲ್ಮಾಂತ್ ಸಾಧ್ಯ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾ. ಮ್ಹಜೆ ಸಮಾಸಮ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಹರ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ತಾಂಚೆಂ ನಿರ್ಫಳ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಆಪ್ಲಾಕ್‌ಚ್ ಸಮಾದಾನ್ ಕರುಂಕ್ ತೆ ಮ್ಹಜೆಂ ಥ್ಯೆಂ ಉಣೆಂಪಣ್ ಸೊಧ್ತಾಲೆ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಗೊಡ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಆಂಬೊಟ್ ರೂಚ್ ಹಾಡುಂಕ್ ತೆ ರಾಕ್ತಾಲೆ.

ಚವ್ತ್ಯಾ ಕ್ಲಾಸಿಂತ್ ಸೆಲಿನ್ ಟಿಚರಿನ್ ವಿವರ್ಶಿಲ್ಲ್ಯಾ "ಕೊಲೊ ಆನಿ ದಾಕಾ ಘೊಸ್" ಕಾಣ್ಯೆಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಮಾಕಾ ಹಾಡ್ತೆತಾಲೊ. ಉಂಚಾಯೆರ್ ಉಮ್ಕಳ್ಳ್ಯಾ ದಾಕಾಂಚ್ಯಾ ಘೊಸಾಕ್ ಅಪ್ಲಾಂವ್ಕ್ ಹಜಾರ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಕೊಲೊ "ಆಂಬೊಟ್ ದಾಕೊ" ಮ್ಹಣ್ ಅಪ್ಲಾಕ್‌ಚ್ ಸಮಾದಾನ್ ಕೆಲ್ಲಿ ಸ್ಥಿತಿ ಜಾಲ್ಲಿ ಹಾಂಚಿ ಸರ್ವಾಂಚಿ.

"ಥೊಡ್ಯಾಚ್ ವೆಳಾನ್ ಮುಂಬಯ್ ಅಂತರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ವಿಮಾನ್ ನಿಲ್ದಾಣಾಂತ್ ದೆಂವ್ತೆಲ್ಯಾಂವ್" ಧ್ವನಿ ವರ್ದಕಾ ಥಾವ್ನ್ ಚಲಿಯೆಚೊ ಸುಮಧುರ್ ತಾಳೊ ಆಯ್ಕಾತಾನಾ. ಹಾಂವೆಂ ಆಖೆಚೊ ಘೊಟ್ ಮಾರ್ನ್ ಗ್ಲಾಸ್ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಸಿಟಿ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿ ಭಿತರ್ ಚೆಪ್ಲೊ. ಆತಾಂ ಆಂತ್ಲಾರ್ ಭರ್‌ಲ್ಲೊ ಕಾಳೊಕ್ ಉಣೆ ಜಾವ್ನ್ ತಾಂಬ್ಡೊ ಮಿಶ್ರಿತ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲೊ.

ವಿಮಾನ್ ಉಂಚಾಯೆ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವ್ತಾನಾ. ಮುಂಬಯ್ ಮಹಾನಗರಾಚಿಂ ಉಂಚಾಯೆಚಿಂ ಭಾಂದ್ಪಾಂ ಆಪ್ಲೆಂ ಆಸ್ತಿತ್ವ್ ದಾಕಯ್ತಾಲಿಂ. ಪಶ್ಚಿಮಾಚ್ಯಾ ಕೊನ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಜಿವಾಳ್ ಚರೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಲೊಕಲ್ ಟ್ರೈನಿ ಹಜಾರೊ ಲೊಕಾಂಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದಿಸ್ಪೊಡ್ಯಾ ಕಾಮಾಕ್ ಪಾವಯ್ತಾಲಿಂ. ಆನಿಂ ಟ್ರೈನಿಂಚೆಂ ಪೊಟ್ ಫುಟೊನ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಬರಿಂ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ಉಮ್ಕಳ್ಳ್ಯಾ ಲೊಕಾಂ ಮ್ಹಧೆಂ ಸರ್ಟಿಫಿಕೆಟ್ಯೊ ಘೆವ್ನ್ ಯೆಜೆಂಟಾಚ್ಯಾ ಒಫಿಸಾಂಕ್ ದಾಂವಟ್ ಕಾಡ್ಚೆಂ ದೃಶ್ಯ್

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮತಿ ಪಡ್ದ್ಯಾರ್ ಉದೆನಾಸ್ತಾಂ ರಾವ್ಲೆನಾಂ.

ಚಂದ್ರಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾ ಮ್ಹಧೆಂ ವ್ಹಾಳ್ಚೊ ಮ್ಹೆಳ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಚೊ ವಾಳೊ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ತಡಿರ್ ಆಸ್ಚಿಂ ಕಾಟ್ ಝುಡಾಂ ವಯ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ಸೊಬ್ತಾಲಿಂ ತರೀ ಮ್ಹೆಳ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಚಿ ಘಾಣ್ ಆಜೂನ್ ಜಿವಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಭಗ್ತಾಲೆಂ. ವಿಮಾನಾಚಿಂ ರೊದಾಂ ಉಗ್ತಿ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಆವಾಜಾ ಸಂಗಿಂ ಜೆರಿಮೆರಿಚ್ಯಾ ಝೊಪ್ಡ್ಯಾಂಚಿ ತಗ್ಡಾಂ ಝುಳ್ಕೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಮ್ಹಧೆಂ ದಾದ್ಲೆ ಆನಿ ಸ್ತ್ರಿಯೊ, ಉಗ್ತ್ಯಾ ರೈಲ್ವೆ ಪಾಟ್ಯಾರ್ ಕುಡಿಚಿ ಗರ್ಜ್ ತಿರ್ಸುಚೆಂ ತೆಂ ದೃಶ್ಯ್ ಮತಿಕ್ ಯೆನಾಸ್ತಾಂ ರಾವ್ಲೆನಾಂ. ಕಷ್ಟಾಂಚೊ ಕಾಳ್ ತೊ... ಆಸೆಂ ಉಗ್ತ್ಯಾ ಮ್ಹೆಳ್ಯಾ ಮ್ಹಧೆಂಯ್ ವಾಟ್ ಕರುನ್ ಚಮ್ಕಲ್ಲೆ ಆನಿ ಕಂಟ್ರಿ ಸೊರೊ ಮಾರ್‌ಲೆಲೆ ದೀಸ್ ಕಾಂಯ್ ನವೆ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ.

ತೆ ದೀಸ್ ಆನಿ ಹೆ ದೀಸ್......! ಕಿತ್ಲಿ ತಫಾವತ್....

ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಕೂಡಾಂತ್ ವಸ್ತಿ ಕೆಲ್ಲೆ ದೀಸ್ ತೆ ಕಾಂಯ್ ಸುಲಭಾಯೆಚೆ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ. ಏಕಾ ತೆಂಪಾರ್ ಫಕತ್ತ್ ಟೆಕ್ಸಿ ಡ್ರಾಯ್ವರ್ ಆನಿ ಹೊಟೆಲಾನಿಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ನ್ ಸಾಂಜೆಚೆಂ ಕಂಟ್ರಿ ಮಾರ್ನ್ ಝುಗಡ್ಯಾಂ ಬೆಬ್ದ್ಯಾಂ ಸಂಗಿಂ ರಾವೊನ್ ಫುಡಾರ್ ಬಾಂದ್ಚೆಂ ಸಲಿಸ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಆಜ್ ಕಷ್ಟಾಂಚೊ ಫಳ್ ಲಾಭ್ಲೊ. ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆ ವಿಶಿಂ ಚಿಂತಾನಾ ಕಾಂಟಾಳೊ ಯೆತಾಲೊ. ಹ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಕಾರಣಾ ಖಾತಿರ್‌ಯೀ ಏಕಾ ದಿಸಾ ವಯ್ರ್ ಮುಂಬಂಯ್ತ್ ಹಾಂವ್ ರಾವೊಂಕ್ ನಾಂ.

ಸಕಾಳಿಂ ಸಾಡೆಸಾತ್ ವರಾರ್ ಜಾಗ್ ಜಾತಾನಾ ಹೊಟೆಲ್ ರುಮಾಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆವ್ನ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಝುಳಯ್ಲಿ. ದುಂವರ್ ವಾಯರ್ಾರ್ ಸೊಡ್ತಾನಾ ಕುಡಿಂತ್ ಏಕಾಥರಾಚೊ ಜಿವಾಳ್ ಭರ್ಲೊ. ಸಭಾರ್ ತೆಂಪಾ ಥಾವ್ನ್ ರಾಕೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಘಡಿ ಲಾಗಿಂ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿ.

“ನತಾಶಾ...”

ಆಜ್ ಸಭಾರ್ ವರ್ಸಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಾಕಾ ಭೆಟ್ಚೊ ಆವ್ಕಾಸ್ ಉದೆಲ್ಲೊ. ತಾಕಾ ಪಳೆನಾಸ್ತಾಂ ಕಾಂಯ್ ಎಕ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ.

ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಸಂಪರ್ಕಾ ಮಾರಿಫಾತ್ (ಸೊಶಿಯಲ್ ಮಿಡಿಯಾ) ಭಾರಾವ್ಯಾ ಕ್ಲಾಸಿಂತ್ ಶಿಕ್ಲ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾಂಕ್ ಮೆಳ್ಚೊ (ರಿ ಯುನಿಯನ್) ಮ್ಹಣ್ ನಿರ್ಧಾರ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಆಸಲಿ ಮಾಂಡಾವಳ್ ಹ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಫೇಶನ್ಸೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾಚ್ಚ್ ಮಾಧ್ಯಮಾದ್ವಾರಿಂ ಸೊಧ್ನಾಂಚ್ಯಾ ಪ್ರಯತ್ನಾನ್ ನತಾಶಾಚೊ ಸಂಪರ್ಕ್ ಲಾಭ್ಲೊ. ಫೆಸ್ಬುಕ್ ಆನಿ ವಾಟ್ಸ್‌ಆಪ್ನ್ ಸಂಸಾರಾಚಿ ನಕ್ಶಾಚ್ ಬದ್ಲಿಲ್ಲಿ. ವಿಸ್ರೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿ ವಳಕ್ ಪರತ್ ಜಿವಿ ಜಾಲ್ಲಿ. ಆಸಂ ನತಾಶಾಕ್ ಮೆಳ್ಚೊ ಅವ್ಕಾಸ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

“ನತಾಶಾ ರೇಗೊ” ತರ್ನಾಟ್ಪಣಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಏಕ್ ಕೊನ್ಸೊ ಕರ್ನ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲಿ ಚಲಿ.... ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ಲೊ ಮೋಗ್ ಉತ್ರಾನಿಂ ಉಚಾರುಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಸಕ್‌ಲ್ಲೊಂ ನಾಂ. ಬಹುಶ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ನೆಗಾರ್ಪಣಾಕ್ ಹಾಂವ್ ಭಿಂಯೆಲ್ಲೊಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಮಧ್ಯಮ್ ವರ್ಗಾ ಆನಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ವರ್ಗಾ ಮದ್ಲ್ಯಾ ಅಂತರಾಕ್ ಶಿರ್ಕಾಂಲ್ಲೊಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ಅಸಲ್ಯಾ ಅಡ್ಕಳಿಂ ಮಧೆಂ ಆಡ್ಲೊನ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಆಚಾನಕ್ ಏಕಾ ದಿಸಾ ನತಾಶಾಚೆಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ತಾಣೆ ಮುಂಬಯ್ಚಿ ವಾಟ್ ಧರ್ಲಿ. ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜೆ ವಾಟೆರ್.....

ಆನಿ ಥೊಡಿಂಚ್ ವರ್ಸಾಂ ತಾಣೆ ಮ್ಹಾಕಾ ರಾಕ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರ್.....?

ಮ್ಹಜೆ ಥ್ರೆಂ ಮಾತ್ತ್ ತಾಚೆ ವಿಶಿಂ ಭಗ್ಲಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂಗೀ ಯಾ ತಾಕಾಯ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಥಂಯ್ ವೊಡ್ಡಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ?. ಹೆಂ ಸವಾಲ್ ಸಭಾರ್ ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಧೊಸ್ತಾಲೆಂ ಮಾತ್ತ್ ನ್ಹಯ್ ಏಕ್ ದೀಸ್ ತಾಕಾ ಭೆಟೊನ್ ಉಚಾರ್ತಾಲೊಂ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ನಿಗಂಟ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ಬಹುಶ್ಯಾ ಆಜ್ ತೊ ದೀಸ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ....

ನತಾಶಾನ್ ಬೆಂಡ್ರಾ ರೈಲ್ವೆ ಸ್ಟೆಶನಾಲಾಗಿಂ ಸಾಡೆ ಆಟ್ ವರಾರ್ ಮೆಳೊಂಕ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಟ್ಯಾಕ್ಸಿ ನಿಗದಿತ್ ಜಾಗ್ಯಾ ತೆವಿಂ ದಾಂವ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂಯ್ ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ವಾಳೊಂಕ್ ಸುರು ಜಾಲಿಂ.

ನತಾಶಾಕ್ ಪ್ರಭಾವಿತ್ ಕರುಂಕ್ ಮೊಲಾದಿಕ್ ಸುಗಂಧ್ ದ್ರವ್ಯಾನ್ ವಸ್ತುರ್ ಪರ್ಮಳ್ತಾಲೆಂ. ಅಬುಧಾಬಿ ಡ್ಯುಟಿಫ್ರೀ ಥಾವ್ನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ವಿದೆಶಿಂ ಚೊಕ್ಲೆಟಾಂ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಮುಂಬಯ್ತ್ ಕೋಣ್ ಇತ್ಲಂ ಮೊಲ್ ದೀವ್ನ್ ಹಾಡ್ತಾತ್..?

ನತಾಶಾ ಸಂಗಿಂ ಇಷ್ಟಾಗಾತ್ ಮುಂದರ್ಸುಂಕ್ ಸುಮಾರ್ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ಹಜಾರಾಂಚಿ ಗಿಫ್ಟಾಂ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ.... ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ನತಾಶಾಕ್ ಸಾಂತಾಕ್ಲೊಸ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಭಗೊಂಕ್ ಪುರೊ... ಲೊಕಾಟೊ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ದಾಂಬುನ್ ಧರ್ಲೊ. ನತಾಶಾಕ್ ಗಲ್ಯಾಚೊ ನೊವ್ರೊ ಫಾವೊ ಜಾತೊ ಆಸ್ಲೊ ಹ್ಯಾ ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಕುಸಾಡಾಯೆ ಥಾವ್ನ್ ಸುಟ್ಕಾ ಆಸ್ತಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ರೆಸ್ಟೊರೆಂಟಾ ಆನಿ ಶೊಪ್ಪಿಂಗ್ ಮೊಲಾಂ ಹಾಂಚಾ ಚಿಂತ್ಲಾ ಭಾರ್ಯ್ರ್ ಆಸಾ... ಬಹುಶ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಮೆಳ್ಚೆ ಖಾತಿರ್ ರಜಾ ಗಾಲ್ಯಾ ದಿಸ್ತಾ. ಮುಂಬಂಯ್ತ್ ರಾವಾಜಾಯ್ ತರ್ ದೊಗಾಂಯ್ನಿ ಕಾಮ್ ಕರಿಜಾಯ್.. ಸರ್ವಾಂಕ್ ತೆಲಾ ಕಂಪೆನಿಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ಚೆ ನೊವ್ರೆ ಮೆಳ್ತಾತ್..?

ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್ ಪಾವ್ಲೊಂ. ನತಾಶಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವರ್ನಿ ಪಯ್ಲೆಂ ಥಂಯ್ ಉಭೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆಜೂನ್ ತೆಂ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ಯಾ ಬರಿಂಚ್ ಆಕರ್ಶಿತ್ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ. ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ರಾಟಾವಳಿ ಜಿಣ್ಯೆ ಮಧೆಂಯ್ ಚಡಿತ್ ಧಣ್ಸುಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ಬರಿಂ ಭಾಸ್ ಜಾತಾಲೆಂ.

“ಆಸಾಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ಲೆಂ ಬರೆಂ ಡ್ರೆಸ್ಸ್ ನೆಸ್ಲಾಂ ದಿಸ್ತಾ ಮಾಕಾಯ್ “ಇಂಪ್ರೆಸ್ಸ್” ಕರುಂಕ್ ಸೊಡ್ನ್ ದಿಂವ್ಕ್ ನಾ ತಾಣಂ...”

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಘರಾ ಆಪಯ್ತಾನಾ ತಾಕಾ ನಾ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಜಾಲೆನಾಂ. ತಾಣೆಂಚ್ ಟೆಕ್ಸಿಕ್ ಹಾತ್ ಕರ್ತಾನಾ ಇಂಡಿಕಾ ಟೆಕ್ಸಿಚ್ಯಾ ಸರ್ದಾರ್ಜಿನ್ ಮಿಟರ್ ಡಾವ್ನ್ ಕೆಲೆಂ. “ಹಿ ಟೆಕಿಗಿ ಡಬ್ಬೊಗೀ... ಬಹುಶ್ಯಾ ಮುಂಬಯ್‌ಗಾರಾಂಕ್ ಹಾಚಿ ಸವಯ್ ಆಸಾ... ಎ.ಸಿ. ಯ್ ನಾ ಆಸ್ಲೆಲಿ.'.. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಕ್ ನತಾಶಾನ್ ಹಾಸೊನ್ ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಚೊಯ್ಲೆಂ. ಡಿಸಿಲ್ ಗಾಡಿ.. ವ್ಹಡ್ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾ... ಮ್ಹಜಿ ಗಾಡಿ ಟೊಯೊಟಾ... ಕಿತೆಂಚ್ ಆವಾಜ್ ಕರಿನಾ..... ಎ.ಸಿ. ನಾಸ್ತಾನಾ ಜಾಯ್ನಾ....

ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾಂಕ್ ಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಟೆಕ್ಸಿ ಜೊನಿ... ಭಾಯ್ ಸಾಬ್... ಮಿಲನ್ ಸಬ್ ವೆ... ನತಾಶಾನ್ ಸಾಂಗ್ತಾನಾ... ಪರತ್ ಮುಂಬಯ್ಚಿ ನಕ್ಶಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮತಿ ಪಡ್ದ್ಯಾರ್ ಜಿವಾಳ್ ಜಾಲಿ.

ಮುಂಬಂಯ್ತ್ ಗಾಡಿ ಫೆಂವ್ಚ್ಯಾಕೀ ರಿಕ್ಶಾರ್ ಯಾ ಚಲೊನ್ ವೆಚೆಂ ಅಧಿಕ್ ಬರೆಂ, ವೆಗಿಂ

ಪಾಂವ್ಚಿ ಗಾರೆಂಟಿ ಆಸಾ..! ಪಾರ್ಕಿಗಾಂಕ್ ಜಾಗೊ ರಸ್ತ್ಯಾ ದೆಗ್... ಪಾವ್ಸಾಂತ್ ಸಾಂಗ್ತಾಂಚ್ ನಾಕಾ... ಮುಂಬಯ್ ವಿಶಿಂ ತಾತ್ಸಾರ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಥೈಂ ಝುಳ್ಕತಾಲೊ. ಗಲ್ಫಾಚ್ಯಾ ಜಿಣೆಯೆನ್ ಮಾಕಾ ಪ್ರಾಭಾವಿತ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

"ವೆರಿ ಇಂಟರೆಸ್ಟಿಂಗ್... ಮುಂಬಯ್ ವಿಶಿಂ ಸರ್ವ್ ಜಾಣಾಂಯ್ ತುಂ... ತುಜೆ ವಿಶಿಂ ಕಾಂಯ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾಂಯ್ ತುಂವೆಂ... ನತಾಶಾನ್ ಮ್ಹಜೆ ವೆಶಿಂ ಜಾಣಾ ಜಾಂವ್ಚಿ ಆತುರಾಯ್ ದಾಖಯ್ಲಿ.

"ಮಟ್ವ್ಯಾನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆ ತರ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ತೆವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಜಾಯ್ತೆಂ ಪಳೆಲಾಂ... ಹರ್ಯೆಕಾ ಮಹಿನ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಬರಿಂ ವಾರ್ಯಾ ಉಬ್ಲ್ಯೊ ಕೆಲ್ಯಾತ್... ಜಾಯ್ ತಿತ್ಲೆಂ ಜೊಡ್ಲಾಂ... ಆಪಾಯ್ಭರಿತ್ ಕಾಮ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಜಾಯ್ತೆ ಪಾವ್ಚಿಂ ಚಾಲೆಂಜಸ್ ಫೆತ್ಲ್ಯಾತ್... ಧರ್ಣಿ ಆನಿ ಆನಿಂ ದರ್ಯಾಂತ್ ಮರ್ಣಾ ಮಧೆಂ ಆಶಿರ್ ಅಂತರಾರ್ ಜಿಯೆಲಾಂ....."

ತುಜೆವ್ಶಿಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾಂಯ್ ತುವೆಂ... ತುಜೊ ನೊವ್ರೊ ಖಂಯ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಾ...? ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಮಿಂ ನತಾಶಾಚ್ಯಾ ವಿಳಾಸಾಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂವ್. ಟೆಕ್ಸಿ ಭಾಡೆಂ ಹಾಂವೆಂ ದೀಂವ್ಕ್ ಹಾತ್ ವೆಲೊ ತರೀ ನತಾಶಾನ್ ಮ್ಹಜೊ ಹಾತ್ ಪಾಟಿಂ ಲೊಟುನ್ ಪಾಂಯ್ಶಿಂ ರುಪ್ಯಾಂಚೊ ನೋಟ್ ವೊಡ್ಡಯ್ಲೊ ತಾಣೆ.

ಮುಖ್ಲಿಂ ಥೊಡಿಂ ಕ್ಷಣಾ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ.... ಮ್ಹಜಿ ಚಿಂತ್ಪಾ ಸಕ್ತ್ ಆತಾಂ ಸ್ತಬ್ಧ್ ಜಾಲ್ಲಿ.... ಹಾಂವ್ ನತಾಶಾಚ್ಯಾ ಫ್ಲೇಟಾಚ್ಯಾ ಬಾಲ್ಕಾನಿರ್ ಉಬೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ. ಬಾವಿಸ್ ಮಾಳ್ಯೆಚೆಂ ಸೆಂಟ್ರಲ್ ಎ.ಸಿ. ಆಸೊನ್ ಮೊಳ್ಬಾಕ್ ಚುಂಬನ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಬಿಲ್ಡಿಂಗ್ ತೆಂ.... ಚಾರ್ ಎಕ್‌ಚ್ ಸಾರ್ಕಿಂ ಭಾಂದ್ಪಾಂ ತಿಂ.... ಮುಂಬಂಯ್ತ್ ಅಸಲಿಂ ಭಾಂದ್ಪಾಂ ಹಾಂವೆಂ ಚಿಂತುಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ತ್ಯಾ ಚಾರ್ ಬಾಂದ್ಪಾಂ ಮಧೆಂ ಸವಿಸ್ತಾರ್ ಸುವಾತೆರ್ ಸೊಬಿತ್ ರಿತಿರ್ ವಾಡಾಯಿಲ್ಲೆಂ ಗಾರ್ಡನ್... ಆನಿ ಮಧೆಗಾತ್ ವಿಶಾಲ್ ಸ್ವಿಮ್ಮಿಂಗ್ ಪೂಲ್...!

ನತಾಶಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪತಿ ಲಾಗಿಂ ಫೊನಾರ್ ಉಲಯ್ತಾಲೆಂ.... ಎಕಾಚ್ಚರಾ "ಐ-ಫೊನ್ 7" ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಉದ್ಗಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವೊಂಟಾರ್ ಉದೆಲೊ.... ಹಾಂವೆಂ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸೆಮ್ಸಂಗ್ ಎಸ್5 ಪಾಟಿಂ ಲೊಟುನ್ ಚೊಕ್ಲೆಟಾಂಚೊ ಬೊಕ್ಸ್ ಭುಗ್ರ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ಮ್ಹಣ್ ತಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ದಿಲೊ..." ಹೆಂ ಪುರಾ ನಾಕಾ ಜೊನಿ.... ತುಜ್ಯಾಂ ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಕ್‌ಚ್ ದವರ್... ಆಮ್ಚಿಂ ಭುಗಿಂ ಚೊಕ್ಲೆಟಾಂ ಖಾಯ್ನ್ ಕರಿನಾಂತ್... ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪತಿನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಥೈಂ ಫ್ರಿಜ್ಯಾಂತ್ ಆಸಾತ್... ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಹಾಂವ್ ತಟಕ್ಕ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ..."" ಹೂಂ ಸಿಂಗಾಪುರ್.. ಬರೊ ಜಾಗೊ" ಮ್ಹಣ್ ಉತ್ರಾಂ ಗುಂತ್ಲಿಂ ಹಾಂವೆಂ." ತಾಕಾ ಪಯ್ಣ್ ಕರುಂಕ್ ಪಸಂದ್ ನಾಂ ತರೀ ಕಾಮಾ ನಿಮ್ತಿಂ ಮಹಿನ್ಯಾಕ್ ದೋನ್ ಪಾವ್ಟಿ ಸಪ್ಲಯರಾಂಕ್ ಮೆಳೊಂಕ್ ಆಸ್ತಾ.

ಚಿಕ್ಕೆ ಬಸ್... ತೊ ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ಆಸಾ, ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಮೋವ್ ಸೊಫಾಚೆರ್ ಕುಲೊ ತೆಂಕ್ಲೊ ಹಾಂವೆಂ.

ನತಾಶಾಚೊ ನೊವ್ರೊ ಆಯಿಲ್ಲೊಚ್ ದೋನ್ ಪೆಗ್ಗ್ ಮಾರುಂಕ್ ಮಿನಿ ಬಾರ್ ತಾಣೆ ಉಗ್ತೆಂ ಕರ್ತಾನಾ ಅಸಲ್ಯೊ ಬಾಟ್ಲ್ಯೊ ಅಬುಧಾಬಿ ಡುಟಿಫ್ರೀ-ಂತ್ಸ್ ನಾಂತ್ ತಸೆಂ ಭಗ್ಲೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ. ರುಚಿಕ್ ಜೆವಾಣ್ ಜಾವ್ನ್ ನಮುನ್ಯಾವರ್ ಫಳ್ ವಸ್ತು ಮಾಂಡ್ತಾನಾ ತಾಂತ್ಲ್ಯೊ ದಾಕೊ ಹಾಂವೆಂ ಪಿಂಚ್ಲ್ಯೊ.

ತಾಂಕಾಂ ಆಧೇವ್ನ್ ಕರುನ್ ಪಾಟ್ ಕರ್ತಾನಾ ದಾರಾರ್ ಡ್ರೈವಾರ್ ಉಬೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಭಾಯ್ರ್ ಆಯಿಲ್ಲೊಂಚ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಝುಳವ್ನ್ ದೋನ್ ದಮ್ ಮಾರುನ್ ಸಿಗ್ರೆಟಿಚೆಂ ಮೂಳ್ ಮೊಚ್ಯಾನಿಂ ಚಿರ್ಡುನ್ ಭಾರಾವ್ರ್ ಮಾಳ್ಯೆಕ್ ಚೊಯ್ಲೆಂ ಹಾಂವೆಂ. ತೆಂ ಉಭಾರ್ ಬಾಂಧಾಪ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಹೆಡಾಯ್ತ್ಯಾ ಕಸೆಂ ದಿಸ್ಲೆಂ. ಡ್ರಾಯ್ವರ್ ಮಾನಾನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ ಬಿ ಎಮ್ ಡಬ್ಲ್ಯು ಕಾರಾಚೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕರುನ್ ರಾಕ್ತಾಲೊ.

ಮ್ಹಜಿ ತೀಕ್ಷ್ಣ ದೀಷ್ಟ್ ನತಾಶಾಕ್ ನಿಯಾಳುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ. ತೆಂಚ್ ಸುಂದರ್ ಅನಿ ಆಕರ್ಶಿತ್ ವದನ್... ತ್ಯಾ ನಾಜುಕ್ ಬೊಟಾ ಮಧೆಂ ಖೆಳ್ತೆಂ ಐ ಫೊನ್.... ಅಂತರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಮಟ್ಟಾಚೆಂ ಸುಂದರ್ ಘರ್... ಆನಿ ಹೆಂ ಕಾಳ್ಯಾ ರಂಗಾಚೆಂ ಬಿ.ಎಮ್.ಡಬ್ಲ್ಯು ಕಾರ್...!!

"ಮ್ಹಜೆ ಬರಿಂ ಘಾಮ್ ಕಾಡ್ನ್ ಜೊಡ್ಲ್ಲೆ ಪಯ್ಶೆ ನ್ಹಯ್ ಹೆ... ಖಂಡಿತ್ ಪಾಡ್ ವಾಟಾನಿಂ ಕಮಯಿಲ್ಲೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ... ನಾಂ ತರ್.. ಇತ್ಲೆಂ ಪುರಾ ಕಶೆಂ...? ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಸಮದಾನ್ ಕೆಲೆಂ ಹಾಂವೆಂ...

ಕಾರಾಚ್ಯಾ ಎ ಸಿ–ಂತ್ ಮಿಶ್ರಿತ್ ವಾತಾವರಣ್, ದಾಕೊ ಖಾವ್ನ್ ಆಂಬೊಟ್ ಜಾಲ್ಲೆ ದಾಂತ್ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ಚೊಕ್ಲೆಟಾ ಡಬ್ಯೊ.. ಪರಾ... ಪರಾ... ಆವಾಜ್ ಕಾರ್ತಾನಾ, ಸೆಲಿನ್ ಟಿಚರಿನ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ "ಆಂಬೊಟ್ ದಾಕೊ" ಕಾಣ್ಯೆಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಮಾತ್ರ್ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಹೆಡಾಯ್ತ್ಯಾ ತಸೆಂ ಭಗೊಂಕ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೆಂ....!

*** – ***

(ಪಯ್ಲ್ಯಾರಿ. 2017)

ಖಂಯ್ಸರ್ ಥಾಂವ್ನಿ..!!?

ಖಂಯ್ಸರ್ ಥಾಂವ್ನಿ..!!?

“ಶಲೂ.. ಶಲೂ....’ ಆವಯ್ಚೊ ತಾಳೊ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಆಪಯ್ತಾಲೊ.

‘ಶರೋನ್... ಶರೋನ್... ಖಂಯ್ ಆಸಾಯ್‌ಗೊ ತುಂ. ಹಾಂಗಾ ಯೇ. ತುಜಾ ಪಾಟಿಚಿ ಕಾತ್ ಕಾಡ್ತಾಂ ಆತಾಂ’

ಆವಯ್ಚೊ ಬಿಗ್ಡೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ತಾಳೊ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಸಂಗಿಂ ಮಾತ್ಯೆಂತ್ ಖೆಳ್ಚ್ಯಾ ಶರೊನಾಕ್ ಆಯ್ಕಾನಾಸ್ತಾನಾ ಗೆಲೊನಾ.

ಥಾಂವ್ನೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂ ತೆಂ. ಪಾಪ್ ಬಾವ್ಡೆಂ ಚ್ಯಾರ್ ವರ್ಸಾಂಚೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ. ಘರ್ಚಿ ಸಾರ್ಕಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ ತಾಕಾ. ಸಂಸಾರಾಚಿ ಕಶಿ ಆಸ್ತೆಲಿ.

ಭಟಾರ್... ಭಟಾರ್...

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾಚೆ ಪಯ್ಲೆ ಮಾರ್ ತೆ.ಸದಾಂಯ್ ಮಾರ್ ಖಾತಾಲೆಂ ತೆಂ.ಆತಾಂ ತಾಕಾ ಮಾರ್ ದುಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆ. ಪೂಣ್ ಎಕಾ ಥರಾಚಿ ಭಿರಾಂತ್ ಹಾಡಯ್ತಾಲಿ.

“ಕಿತೆಂಗೊ, ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂ ಸಂಗಿಂ ಖೆಳಾನಾಕಾ ಮ್ಹಣ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಹಾಂವೆಂ. ತುಂ ಆಯ್ಕಾನಾಂಯ್. ತುಕಾ ಮಾರ್‌ಚ್ ಗತ್. ತ್ಯಾ ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಖೆಳೊನ್ ಖೊರೊಜ್ ಲಾಗವ್ನ್ ಘೆಂವ್ಕ್.”

“ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರಿನಾಕಾ ಮಮ್ಮಿ. ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಥಂಯ್ ವಚೊನ್ ಖೆಳಾನಾ.”

ತೆಂ ರಡ್ತಾಲೆಂ. ತಾಚಿಂ ಪಿಂತ್ರಾಂ ಭರ್‌ಲ್ಲೆ ದೋನ್ ದೊಳೆ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ಕ್ ಚೊಯ್ತಾಲೆ. ಕಾಂತುನ್ ಆವಯ್ಚೆಂ ಅಸ್ಪಷ್ಟ್ ರೂಪ್ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ.

“ಆಯ್ಕ್‌ಗೊ, ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ಬಜಾರಾಕ್ ವೆತಾಂ. ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ವೇಳ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ, ಖಂಯ್ ವಚನಾಕಾ, ವಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ ಸಂಗಿಂ ಘರಾಚ್ ರಾವ್. ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ತುಂ ಖೆಳೊಂಕ್ ವಚಾನಾಕಾ” ಧೆಂಕ್ಣೊ ದಿಲೊ ಆವಯ್ನ್.

“ಹುಂ:

ಹೂಂ.. ಹೂಂಂ

ಶರೋನಾನ್ ರಡೊಂಕ್ ಸುರು ಕೆಲೆಂ, ಹಾಂವೆಂ ಖೆಳ್ಚ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಜಾತಾ? ಹಾವೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಖೆಳುಂಕ್ ನ್ಹಜೊ? ಮಮ್ಮಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರ್ಲ್ಯಾರ್ ತಿಕಾ ಕಿತೆಂ ಮೆಳ್ತಾ? ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಶೆಂ ರಡೊಂಕ್ ಯೆತಾ?

ನೆಣ್ತಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ತಾಚ್ಯಾ ಮತಿಕ್ ವೆಡೊ ಘಾಲ್ತಾಲಿಂ.ಆತಾಂ ತೆಂ ನಿದ್ಚ್ಯಾ ಕುಡಾಚಿಂ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಚೆ ಕಿಣ್ಕುಳೆ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ಪಾಂಯಾಂಚ್ಯಾ ಪಂದಾ ತೊಪ್‌ಲ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ದುಕ್ತಾಲೊ.

ಮಮ್ಮಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮಾರುಂಕ್ ನಾ?

ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪಾಂಯಾಂಚ್ಯಾ ಕಿಣ್ಕುಳ್ಯಾಂಚೊ ಆವಾಜ್ ಜಾಲೊ. ತೆಂ ಪಾಂಯಾಂಚೆಂ ಸೊಭಾಣ್ ತಾಚ್ಯಾ ಅಂಕಲಾನ್ ದಿಲ್ಲೆಂ, ತಿ ಮೊಗಾಚಿ ಕಾಣಿಕ್ ಜಾವ್ನ್.

ಹಾಂ! ತೊ ದೀಸ್! ಮ್ಹಜೊ ಜಲ್ಮಾ ದೀಸ್!

ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತ್ಲೊ ಸಂತೊಸ್. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಕೇಕ್ ಕಾತರ್‌ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ಸಕ್ಡಾಂಕ್ ಹಾಂವೆಂ ಖಾವಯಿಲ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಮಾಸ್ ಆನಿ ಪೊಳಿ ರಾಂದ್‌ಲ್ಲಿ. ಆಮ್ಗೆರ್ ಸಯ್ರೆ ಆಯಿಲ್ಲೆ. ಸರ್ವಾಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಕೇಸ್ ದಿಲ್ಲೆ. ಕಾಣಿಕೊ ದಿಲ್ಲ್ಯೊ. ಮ್ಹಜೆ ಕಡೆನ್ ಖೆಳ್ಣ್ಯೊ ವಸ್ತು ಆಸ್ಲ್ಯೊ. ತೆ ಪುರಾ ಆತಾಂ ಪಾಡ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್. ಆನಿ ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಹೆ ಕಿಣ್ಕುಳೆ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಅಂಕಲಾನ್ ದಿಲ್ಲೆ. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಸರ್ವಾಂನಿ "ಹೆಪ್ಪಿ ಬರ್ಥ್‌ಡೇ" ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಹಾಂ। ತೊ ದೀಸ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾರ್ಕೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮಮ್ಮಿನ್ ಮಾರುಂಕ್ ನಾ. ಗಾಳಿ ಸೊವುಂಕ್ ನಾಂತ್. ಶರೋನಾಚಿ ಮಾಸೂಮ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ತಿಂ. ಹಳೂ ನಿದ್ಚ್ಯಾ ಕುಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯ್ಲೆಂ ತೆಂ. ಆತಾಂ ತಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ. ವಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ ನಿದ್‌ಲ್ಲಿ. ತಾನ್ ಲಾಗ್ಲಿ ತಾಕಾ. ಉದಾಕ್ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ರಾಂದ್ಪಾ ಕುಡಾಕ್ ಗೆಲೆಂ ತೆಂ. ಪಾಂಯಾಂ ಪಂದ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ತೊಪ್ತಾಲೊ ಜಾಲ್ಯಾನ್ ಪಾಂಯ್ ವೊಡ್ನ್ ಚಲ್ತಾಲೆಂ ತೆಂ.

ಕಾಲ್ ತ್ಯಾಚ್ ಕುಡಾಂತ್ ಮಮ್ಮಿ ಸಂಗಿಂ ಉಲೈತಾಲಿಂ. ಮಮ್ಮಿ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಾಲಿ. ಭೋವ್ಪಾ ಕಾಫಿ ಕರ್ತಾಲಿ ಹೆಂ ಕಾಲೆಂ ಮಮ್ಮಿ? ತೆಂ ಕಾಲೆಂ? ಹಿ ಮ್ಹಜಿಂ ಸದಾಂಚಿಂ ಸವಾಲಾಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲಿಂ. ತಿ ಸಾಕರ್. ಹೆಂ ಗೋಡ್. ತೊ ಚಾ ಪಿಟೊ. ಅಶೆಂ ತಿ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿ.ಖಂಯ್ಚೆಂಯ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಉಗ್ಡಾಸ್ ನಾ, ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ತ್ಯಾ ಕಾಳ್ಚಾಚಾ ಕುಡಾಂತ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ಥಂಯ್ ವಚಾಜಾಯ್. ಕಿತೆಂ ಆಸಾ ಪಳೆಜಾಯ್. ಹಳೂ ತಿಳ್ಳೆಂ ಹಾಂವೆಂ. ಫಕತ್ ಕಾಳೊಕ್. ಪಾಟಿಂ ವಚೊನ್ ವಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಳೆಲಂ. ತಿ ನಿದ್‌ಲ್ಲಿ. ತಿ ಮಾರಿನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಪುಣ್ ತಿ ಮಮ್ಮಿಕಡೆನ್ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ಮಮ್ಮಿ ಮಾರ್ತಾಲಿ.

ತ್ಯಾ ಕುಡಾ ಭಿತರ್ ವಚಾಜಯ್! ಹಾಂವ್. ಥಂಯ್ ವೆಚೆಂ ನ್ಹಯ್. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಥಂಯ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಮಾಮ್ಮಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತೆಂ ಸಕ್ಡ್ ಆಪ್ಲಿಲ್ಯಾರ್ ಆಜ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಮಾರ್ತೆಲಿ.

ಭಾಯ್ರ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಹಾಂವ್. ಪಾಂಯಾಚೆ ಕಿಣ್ಕುಳೆ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಲೆ. ವಡ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ ಜೆಮೆತಾಲಿ. "ಮಾಂಯ್" ಆಪಯ್ಲೆಂ ಹಾಂವಂ.

"ಸಾಕರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಚಾಯೆಕ್ ಭರ್ಸುಂಚಿ ಸಾಂಗ್ ಪಳೆಯಾಂ?" ಟಿಚೆರಿಚೆಂ ಸವಾಲ್ ಮ್ಹಜೆಂ.

"ಚಾ ಪಿಟೊ ಕೊಡ್ಡು ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಚಾ ಗೋಡ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುತಾ. ತರ್ ಸಾಕರ್ ಗೋಡ್ ಆಸ್ತಾಗಿ?"

"ವ್ಹಯ್ ಪುತಾ" ಜೆಮೆವ್ನ್ ಜವಾಬ್ ದಿಲಿ ತಿಣೆ.

ಆತಾಂ ಹಾಂವ್ ತ್ಯಾ ಕಾಳ್ಚ್ಯಾಕುಡಾಂತ್ ಉಭಿಂ ಅಸ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ಸಾಕಿಚೊ ದಬೊ ಮ್ಹಜಾ ಹಾತಾಕ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲೊ. ಆಮ್ಗೊರಾನ್. ಆವಾಜಾವಿಣೆಂ. ಭೋವ್ ಚತ್ರಾಯೆನ್ ತಾಂತ್ಲಿ ಮೂಟ್‌ಭರ್ ಸಾಕರ್ ಕಾಡ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ. ಕಾಳ್ಜಾಚಿ ಉಡಿ ಧಡ್ಡಡ್ತಾಲಿ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಚೆಂ ಸಾಹಸ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಏಕ್ ಮೂಟ್ ತೊಂಡಾಂತ್ ಭರ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ.

ಮ್ಹಾಕಾ ಚ್ಯಾರ್ ವರ್ಸಾಚಿ ಪ್ರಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರೀ ಪಯ್ಲೆಪಾವ್ಟಿಂ ಹಾಂವೆಂ ಸಕರ್ ಖಾಂವ್ಚಿ [illegible].

ಸಂತೊಸ್‌ಚ್ ಸಂತೊಸ್ ಮ್ಹಾಕಾ! ಸುಮಧುರ್ ಅನುಭವ್!

ಮ್ಹಜೆ ಹಾತ್ ಅನಿ ತೊಂಡಾರ್ ಸಾಕರ್ ಚಿಡ್ಕಲ್ಲಿ. ತಿ ಸಕಾಳಿಂಚ್ಯಾ ಸುರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕಿರ್ಣಾಕ್ ಮೊತಿಯಾಂಬರಿ ಪರ್ಜಳ್ತಾಲಿ. ಏಕ್ ಮೂಟ್ ಸಾಕರ್ ಗೆವ್ನ್ ಧಾಂವ್ಲಿಂ ಹಾಂವ್, ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಅಲೆಸಾಗೆರ್! ತಿಂ ಸದಾಂಚ್ ಮ್ಹಜೆ ಸಂಗಿಂ ಖೆಳ್ತಾಲಿಂ. ತಾಂಚೊ ಅಂಕಲ್ ತಾಂಕಾಂ ಚೊಕ್ಲೆಟಾಂ ಹಾಡ್ನ್ ದಿತಾಲೊ ಅನಿ ತಾಂತ್ಲಿಂ ಥೊಡಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಹಾಡ್ನ್ ದಿತಾಲಿಂ ತಿಂ.

ಆತಾಂ ಹಾಂವೆಂ ತಾಂಕಾಂ ದೀಜಾಯ್!

ಘೆವ್ನ್ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಘರಾ ಧಾಂವ್ಲಿಂ ಹಾಂವ್. ಮ್ಹಜೆ ಪಾಂಯಾಂಚೆ ಕಿಣ್ಕಿಳೆ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾಲೆ ಸದಾಂಚೆಪರಿಂ. ಪಾಂಯಾಂ ಪಂದ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ತೊಪ್ತಾಲೊ. ಪುಣ್ ದುಕ್ ವಿಸ್ರಾಲ್ಲಿಂ.

ಪೂಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಅನ್ಯೇಕ್ ವಿಚಿತ್ರ್! ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಅಲೆಸಾಕ್ ಸಾಕರ್ ಖಾಂವ್ಚಿ ಉರ್ಬಾ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತಿ ತಾಂಕಾಂ ಸದಾಂಚಿ ಜಾಲ್ಲಿ.ತಾಂಚಿ ಆವಯ್, ಭಯ್ಣಿ, ತಾಕಾ ಸದಾಂಚ್ ದಿತಾಲಿಂ. ಅಶೆಂ ಕಶೆಂ ಹೆಂ? ಮ್ಹಜಿ ತರ್ನಿ ಮತ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ.

ತಾಂಚ್ಯಾ ಘರ್ಚಿಂ ಬರಿಂ ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಮಮ್ಮಿ ಪಾಡ್. ತಾಂಕಾಂ ಸದಾಂಚ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ದಿತಾತ್. ಅಮ್ಗೆರ್ ದೀನಾಂತ್. ಭೋವ್ಯಾ ಮಮ್ಮಿ ಎಕ್ಲಿಚ್ ಖಾತಾ ಜಾಯ್ಜಯ್. ತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಖಂಚೆಂ ಬರೆಂ ಜಾತಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಜಾಯ್ ತೆಂ ಮಮ್ಮಿ ದೀನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರ್ತಾ. ವಿಚಾರ್ಲ್ಯಾರ್‌ಯೀ ದೀನ ಅನಿ ಗಾಳಿ ಸೊಪ್ತಾ.

ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಸುಸ್ತಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಏಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮ್ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಮಮ್ಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಬರೆಂ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ದೀನ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಮಮ್ಮಿ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತವಳ್ ಹಾಂವೆಂ ತೆಂ ಕಾಡ್ನ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್."

ಮ್ಹಜೆ ನೆಣ್ತೆ ಪಾಂಯ್ ಗಣ.. ಗಣ.. ಆವಾಜಾ ಸಂಗಿಂ ನಿದ್ಚಾ ಕುಡಾಕ್ ಚಮ್ಕಾಲೆ. ಹೊ ಏಕ್ ದೀಸ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಪುಣ್ ಅಶೆಚ್ ದಿಸಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ದೀಸ್ ಉಬ್ಲೆ. ಕಿತ್ಲ್ಯೊ ರಾತಿ ಉತರ್ಲ್ಯೊ ಕಿತ್ಲೆ ದೀಸ್ ಗೆಲೆ. ಮಯ್ನೆ ಸಂಪ್ಲೆ ತೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಿತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ವಸ್ತುಕ್ ಮಮ್ಮಿಚಿ ಅಡ್ಕಳ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಮಾತ್ರ್ ಆನಿ ತೊ ಏಕ್ ದೀಸ್...

ಮಮ್ಮಿ ಖಂಯ್ ವಚೊನ್‌ಗೀ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾಲಿ.ಮ್ಹಜಾ ಮನಾಂತ್‌ಚ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ, ಆಜ್ ಕಿತೆಂ ತರೀ ಕರಿಜಾಯ್, ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ.

ಶರೋನ್... ಶರೋನ್... ಮಮ್ಮಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಪಯಿಲ್ಲೆಂ.

"ಹಾಂವ್ ಮಿಸಾಕ್ ವೆತಾಂ. ಖಂಯ್ ವಚಾನಾಕಾ.. ಘರಾಚ್ ರಾವ್. ತ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ ಕಡೆನ್ ವಚಾನಕಾ. ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ವಚಾನಾಕಾ. ಮಾಗಿರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಾತ್ ತರ್ ತುಕಾ ಮಾರ್ತೆಲಿಂ. ವಚ್ ಭಿತರ್ ವಚ್ ಖಾಟ್ಯೆರ್ ನಿದೆ."

ಹಾಂವ್ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವ್ಲಿಂ. ಮ್ಹಜಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಬಳ್ ಜಾತೆಲಿಂ.

ಘರಾ ಥಾವ್ನ್ ಮಮ್ಮಿ ಭಾಯ್ರ್ ಸರೊನ್ ಪಂದ್ರಾ ಮಿನುಟಾಂ ಉತ್ರಾಲ್ಲಿಂ.

"ಘರಾ ಲಾಗಿಂಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ ಕಡೆನ್ ವಚನಾಕಾ" ಹಾಂವೆಂ ಥಂಯ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಜಾತಾ? ಸಾಕರ್ ಕಾಡ್ಚಿ ನ್ಹಯ್ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್‌ಯೀ ಹಾಂವೆಂ ಕಾಡುಂಕ್ ನಾಂಗಿ?

ಮ್ಹಾಕಾ ತಿ ಬರಿ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾಂಗಿ? ನಾ, ಹಾಂವ್ ಥಂಯ್ ವೆತೆಲಿಂ. ಮ್ಹಜಿ ವೊಡ್ಣಿ ತ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಕಡೆನ್ ವೆತಾಲಿ.

ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ತಾಲಿಂ.... ತಿ ಮ್ಹಜಿ ಧಾಂವ್ಲಿ.

ಹಾಂ!.. ಕಿತೆಂಗಿ ಮ್ಹಾಕಾ ವಿಚಾರುಂಕ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ ವಡ್ಲಿಮಾಂಯ್ ಕಡೆನ್.

ಮಾಂಯ್, ಬಾಂಯ್ತ್ ಕಿತೆಂ ಆಸ್ತಾ?

'ಉದಾಕ್ ಆಸ್ತಾ ಪುತಾ"

ಉದಾಕ್? ಹಾಂ ಉದಾಕ್ ಥಂಡ್ ಆಸ್ತಾ ನ್ಹಯ್‌ಗಿ? ತಾಂತುನ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ಬರೆಂ ಜಾತಾ. ಮಾಂಯ್, ಉದ್ಕಾಂತ್ ಖೆಳ್ಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಜಾತಾ?

ತಾಪ್ ಯೆತಾ. ಶೆಳ್ ಜಾತಾ. ಸಗ್ಳೊ ದೀಸ್ ನಿದಾಜಯ್ ಪಡ್ತಾ. ಆನಿ ವೊಕಾತ್ ಪಿಯೆಜಯ್ ಪಡ್ತಾ.

ಆತಾಂ ಮ್ಹಜೊ ದುಬಾವ್ ಪರಿಹಾರ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಉದ್ಕಾಂತ್ ಕೆಳ್ಚೆಂ, ಭೋವ್ ಸಂತೊಸಾಚೆಂ. ಮಾಗಿರ್ ತಾಪ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ತೆಂ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ ಪುಣ್ ತಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ನಿದ್ಚೆಂ. ಭಾರಿ ಬರೆಂ ಜಾತಾ. ವಕಾತ್!? ಹಾಂವ್. ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಮಮ್ಮಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಲ್ಲೆಂ. ತೆಂ ಗೋಡ್ ಶೆರ್ಬತಾಬರಿಂ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ಲಿಂ.. ಮ್ಹಜೆ ಪಾಂಯ್ ಧಾಂವ್ತಾಲೆ. ಆನಿ ತಾಂಚೆಸಂಗಿಂ ಹಾಂವ್‌ಯೀ ಧಾಂವ್ತಾಲಿಂ. ತ್ಯಾ ಬಾಂಯ್‌ಕಡೆನ್!

ಪಾಂಯಾಚೆ ಕಿಣ್ಕುಳೆ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾಲೆ ಗಣ ಗಣ ಆವಾಜ್ ಸದಾಂಚಾ ಭರಿಂಚ್ ಆಯ್ಕಾತಾಲೊ. ಪಾಂಯಾಂ ಪಂದಾ ತೊಪ್‌ಲ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ಆಜ್ ದುಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ಭೋವ್ತ್ ದುಕ್ತಾಲೊ ಜಾಯ್ತಯ್. ಸಂತೊಸಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಅತಾಂ ಹಾಂವ್ ಬಾಂಯ್ ಕದೆನ್ ಉಭಿಂ ಆಸ್ಲ್ಲಿಂ.

"ಶರೋನ್ ಬಾಂಯ್ ಕಡೆನ್ ವಚಾನಾಕಾ. ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಮಾರ್ತೆಲಿಂ". ಆವಯ್ಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆಯ್ಕಲ್ಲಿಂ ಪ್ರತಿಧ್ವನಿತ್ ಜಾತಾಲಿಂ. ಕ್ರಮೇಣ್ ಕ್ಷೀಣ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಲೊ ತೊ ತಾಳೊ ಆನಿ ಅಖೇರ್ ಶೂನ್ಯ.

ಮತಿಚ್ಯಾ ಅನ್ಯೇಕಾ ಕೊನ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆತಾಲೊ ಅನ್ಯೇಕ್ ಆವಾಜ್!

"ಶರೋನ್... ತುಂ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಖೆಳ್ಟಾಂಯ್? ಹಾಂವ್ ಕೋಣೀ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಚ್ಯಾ ಟಾಂಕಿಂತ್ ಖೆಳ್ತಾಂ. ಕಿತ್ಲಿ ಮಜಾ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಜಾಣಾಯ್‌ಗಿ? ಉದ್ಕಾಂತ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ಬರೆಂ ಜಾತಾ ನ್ಹಯ್‌ಗಿ?" ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಘರಾಚಾ ಅಲೆಸಾಚೊ ತಾಳೊ ಬಳ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲೊ. ಕ್ರಮೇಣ್ ತಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಇತ್ಲಿಂ ಖಂಚ್ಲ್ಲಿಂ ಕಿ ದುಸ್ರೊ ತಾಳೊ ಯಾ ಆವಾಜ್ ಲಿಪ್‌ಲ್ಲೊ. ಮ್ಹಜಿ ಕೂಡ್ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಉಡೊಂಕ್ ಅತ್ರೆಗ್ತಲಿ. ಆವಯ್ ಘರಾ ಯೇಂವ್ಕ್ ಅನಿಕ್‌ಯೀ ವೇಳ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ಮಾಂಯ್ ನಿದೆಂತ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ.

ಮ್ಹಜಿ ಕೂಡ್ ಬಾಂಯ್ ಆನಿ ಧರ್ಲಿ ಮಧೆಂ ಮಾಲ್ವಾಲಿ.

ಹಾ! ಎಕಾ ಥರಾಚೊ ಉಲ್ಲಾಸ್!

ಧಡಾಲ್ಲ್!

ಮ್ಹಜಿ ಕೂಡ್ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಲಿಪ್‌ಲ್ಲಿ! ಥಂಡ್ ಉದಾಕ್, ಹಿಂವಾಳ್ ಅನುಭವ್! ಉದ್ಕಾಚ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾ ಥಾವ್ನ್ ಹಳ್ತಾರ್ ಸಕಯ್ಲ್ ಆನಿ ಸಕಯ್ಲ್.

ತಶೆಂಚ್ ಥಳಾ ಥಾವ್ನ್ ವಯ್ರ್ ಆನಿ ವಯ್ರ್, ಹಿ ಧಾಂವ್ಣಿ ರಾವ್‌ಲ್ಲಿ. ಮ್ಹಜೊ ಉಸ್ವಾಸ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ. ಮ್ಹಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಅಯ್ಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಸಂಸಾರ್ ಸ್ತಬ್ಧ್ ಜಾಲ್ಲೊ ಯಾ ಹಾಂವ್. ವಯ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ಬೊಬಾಟ್ ಆಯ್ಕಾತಾಲಿ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆ ಕಾನ್ ಆಯ್ಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆ. ವಯ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ಸರ್ವಾಂ ತಿಳ್ತಾಲಿಂ. ಮ್ಹಜೆ ದೊಳೆ ಉಗ್ತೆ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ ಪುಣ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆ.

ವಾತಾವರಣ್ ತಶೆಂಚ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೊ ಉಸ್ವಾಸ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ.

ಹಾಂವ್ ಮರಣ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿಂ ಸಸ್ಣಾಚ್ಯಾ ಸಸ್ಣಾಕ್. ಮ್ಹಜೊ ಖೆಳ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ. ಚಿಂತ್ನಾಂ ರಾವ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಅನಿ ಸಂಸಾರಿ ಧಾಂವ್ಣಿ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ತಿ ಖಂಯ್ಸರ್!?

ಇಗರ್ಜೆಚಿ ಘಾಂಟ್ ಡಾಂಯ್.. ಡಾಂಯ್ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾಲಿ.

ಪುಣ್!

ಧಾಂವಾಂ.. ಧಾಂವಾ.. ಮ್ಹಣ್ ಸರ್ವಾಂಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಆಯ್ಕಾತಾಲಿ.

ಸದಾಂಚ್ ಮಮ್ಮಿ ಮ್ಹಾಕಾ ರಡಯ್ತಾಲಿ ಆನಿ ಆಜ್ ಖುದ್ದ್ ಮಮ್ಮಿ ರಡ್ತಾಲಿ.

ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಕಿಣ್ಕುಳೆ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ ಪುಣ್ ಆವಾಜ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ.

ಪಾಂಯಾಂಕ್ ತೊಪ್‌ಲ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ಅನಿಕ್‌ಯೀ ಕಾತಿ ಭಿತರ್ ಆಸ್ಲೊ.

ಪುಣ್ ತೊ ತೊಪಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ..

ನೆಣಾರ್‌ಪಣಾಚೆಂ ಏಕ್ ಮಾಸೂಮ್ ಮುಗ್ಧ್ ಭುರ್ಗೆಂ ಆಜ್ ಸಂಸಾರಾ ಹುಜ್ರಿಂ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ... ತೆಂ ಕೆದಿಂಚ್ ಕೊಣಾಯ್ಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂ ಹುಜ್ರಿಂ ಆಯ್ಲೆಂ ನಾ.

*** – ***

ಚಾಬೂಕ್

ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಬ್ಯಾಪ್ಟಿಸ್ಟ್!

ಕಾಂಟ್ರಾಚೊ ಸರಿಯೆರ್ ನಿದ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಪರಿಂ ತಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ. ಘಾಮ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಪಲಾಥಾವ್ನ್ ದೆಂವ್ತಾಲೊ, ತಾಚ್ಯಾ ನಾಂವಾಚೆ ಫಳ್‌ಯೆರ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಚ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾಪರಿಂ, ಸಹಜ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಣೆ ಘಾಮೆಂವ್ಚೆಂ ವಾತಾವರಣ್ ಥಂಯ್ಚರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ವೊರಾಂ ರಾತಿಚಿಂ 12.43 ವ್ಹಾಜ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ತಿತ್ಲೆಂ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ ವಾರೆಂ ಭರಾನ್ ವ್ಹಾಳ್ತಾಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಕುಡಾಚ್ಯಾ ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ವ್ಹಾಳ್ಚ್ಯಾ ವಾರ್‍ಯಾವರ್ವಿಂ ಪಡ್ದೆ ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾಲೆ. ಹಳೂ ಉಟೊನ್ ತಾಣೆ ಪಾಂಗುರ್ಲೆಲಿ ಉಲ್ಲನ್ ಕಾಂಬೊಳ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಆಂಗಾವಯ್ಲಿ ನಿಸ್ರಾಯ್ಲಿ. ಏಕ್ ಘಡಿಭರ್ ತಾಣೆ ವೊಜಾಚೆರ್ ನದರ್ ಮಾರುನ್ ಖಾಟ್‌ಯೆರ್ ಥಾವ್ನ್ ತೊ ಸಕ್ಲಾ ದೆವ್ಲೊ. ಜಳಾರೆಂಚೆಂ ಜಾಳ್ ತಾಣೆ ದೆಗೆನ್ ಲೊಟುನ್ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಘುಂವ್ಚ್ಯಾ ಫೆನಾಚೆರ್ ದೀಶ್ಟ್ ಮಾರ್ಲಿ. ತಶೆಂಚ್ ತಾಣೆ ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಉಭ್ಚ್ಯಾ ಪಡ್ದ್ಯಾಂಕ್ ಹಾತಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ದವರ್ಚೆಂ ಪ್ರೆತನ್ ಕರ್ಚೆ ಸಂಗಿಂ ಜನೆಲಾಚಿಂ ಬಾಗ್ಲಾಂ ಧಾಂಪ್ಲಿಂ. ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಎಕೆ ಘಡಿಯೆ ತಾಚಿ ದೀಶ್ಟ್ ಪ್ರಕೃತಿಚೆರ್ ವಚಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲಿನಾ.

ಫಾ। ವಿವಿಯನಾನ್ ಅಪ್ಣಾಕ್‌ಚ್ ಧಾಂಪ್‌ಲ್ಲೊ!

ಪ್ರಕೃತೆಥಾವ್ನ್ ಆನಿ ವಾಸ್ತವಿಕ್‌ಪಣಾ ಥಾವ್ನ್!!

ಸಮತೋಲನ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಜಿವಿತ್ ತಾಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ!

ಮೊದ್ರಾನೆರ್ ಥಂಡ್ ವಾರ್‍ಯಾ ಮಧೆಂ ತೊ ಘಾಮೆಲ್ಲೊ!

ತಾಚಿ ಖಾಟ್ ಧರ್ಲಿಚ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾ ಥಾವ್ನ್ ತೀನ್ ಫುಟ್ ಉಭಾರಾಯೆರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಧರ್ಣಿರ್ ತಾಕಾ ನೀದ್ ಪಡಾನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ತೊ ಉಂಚಾಯೆರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ! ನಯ್‌ಸರ್ಗಿಕ್ ವಾರೆಂ ತಾಕಾ ನಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತಾ ಖಾತಿರ್ ತಾಣೆ ಬಾಗ್ಲಾಂ ಧಾಂಪ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಪುಣ್ ಫ್ಯಾನ್ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಘುಂವ್ತಾಲೆಂ. ಫ್ಯಾನ್ ಘುಂವ್ತಾಲೆಂ ತರ್ ಉಲ್ಲನ್ ಕಾಂಬೊಳ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್? ಅಪ್ಣಾಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾಚೆಂ ರಕ್ಷಣ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತೊ ಆಜ್ ಜಳಾರೆಂಚ್ಯಾ ಜಾಳಾಭಿತರ್ ಲಿಪ್‌ಲ್ಲೊ!

"ಅಪ್ಲ್ಯಾಪಣಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್! ನಿಸರ್ಗಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್! ಪೊಳಾಫಳ್!"

ಅಪ್ಲೆಸ್ತಕಿಂ ಉದ್ಗಾರ್ಲೊ ತೊ.

ವ್ಹಯ್ ಪಾಂಚ್ ವೊರಾರ್ ಸಕಾಳಿಂ ತಾಕಾ ಘಡಿಯಾಳಾಚೆಂ ಎಲೆರಾಮ್ ಉಟಯ್ತಾಲೆಂ. ಸ ವೊರಾರ್ ಚಾಯೆಸಂಗಿಂ ನಶ್ಟೊ ತಯಾರ್ ಜಾತಾಲೊ. ಆನಿ ಸಾತ್ ವೊರಾರ್ ಆಲ್ತಾರಿರ್ ತೊ ಚಡ್ತಾಲೊ. ದೆವಾಚೆಂ ಉತರ್ ಫೆವ್ನ್! 'ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲ್ಹಾನಾ ಭಾವಾಂಕ್ ತುಮಿ ಕಿತೆಂ ಕೆಲೆಂ ತೆಂ ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ತುಮಿ ಕೆಲೆಂ.'

ತೊ ಅಪ್ಲೆ ಕಾಯ್ದೆ ಪಾಳ್ತಾಲೊ. ಲೊಕಾಕ್ ಶಿಕವ್ನ್ ದಿಂವ್ಚಿ ದೆವಾಚ್ಯೆ ನಾಂವಿಂ. ಆನಿ ಲೋಕ್ ಕಾಯ್ದೆ ಪಾಳ್ತಾಲೊ. ದೆವಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆಯ್କೊನ್, ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಆಜ್ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಮದೆಂ ಶಿರ್ಲ್ಲಾಲ್ಲೊ! ದರ್‌ಯಾಂತ್ ಶಿರ್ಕಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾರ್ವಾಬರಿಂ. ತಾಚೆಂ ಏಕ್ ಏಕ್ ಮೇಟ್ ತಾಕಾ ವಿಚಿತ್ರ್ ರಾಜಾಂವ್ ಹಾಡ್ತಾಲೆಂ.

ನೀದ್ ತಾಕಾ ಆಯ್ಲಿನಾ!

ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಜನೆಲಾ ಸರ್ಯಿನ್ ವಚೊನ್ ಜನೆಲಾಚಿಂ ಬಾಗ್ಲಾಂ ಉಗಡ್ಲಿಂ. ಭರಾನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ವಾರ್ಯಾನ್ ತಾಚೆ ಕೇಸ್ ಬಿಜ್ಲೆ ಕೆಲೆ. ಶೀತಳ್ ವಾರೆಂ ತಾಚ್ಯಾ ಹರ್ದ್ಯಾರ್ ಮಾರ್ತಾನಾ ಲೋಹಾಚೊ ಖುರಿಸ್ ತಾಚ್ಯಾ ಹರ್ದ್ಯಾಕ್ ಥಂಡಾಯ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಸೊಬಿತ್ ಸುಂದರ್ ಪ್ರಕೃತಿ ತಾಚ್ಯಾ ಮುಕಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ! ನಿಸರ್ಗ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಖಾತಿರ್‌ಗಿ ವಾ ನಿಸರ್ಗಾಖಾತಿರ್ ಮನಿಸ್!?

ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ನಿಸರ್ಗಾಚೆರ್ ಮಾರ್ಲ್ಡಿ ದಾವ್ಲಿಗಿ? ವಾ ಮನಿಸ್ ಹ್ಯಾ ನಿಸರ್ಗಾಂತ್ಲಿ ಬಾವ್ಲಿ!? ಮನಿಸ್ ನಿಸರ್ಗಾಖಾತಿರ್ ಕಿತೆಂ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ತಾ? ವಾಡೊಂಕ್ ಏಕ್ ಬರೆಂ ವಾರೆಂ?

ಘಟಾಯೆಕ್ ಏಕ್ ಸಾರ್? ಫುಲೊಂಕ್ ಏಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್?

ಸುಕ್ಣಿಂ ವೊಂಪಿನಾಂತ್, ಲುವಾನಾಂತ್, ಫಾಲ್ಯಾಂಚೆಂ ಚಿಂತಿನಾಂತ್. ಪುಣ್ ತಿಂ ಖಂತಿವಿಣೆ ಸುಕಿ ಆಸಾತ್. ಮಾನ್ ಧಾಂಪುಂಕ್ ವಸ್ತುರಾಂ ತಿಂ ನ್ಹೆಸನಾಂತ್. ದಿಷ್ಟಿಖಾತಿರ್ ಚಸ್ಮಾ ತಿಂ ಘಾಲಿನಾಂತ್.

ಮನಿಸ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಪೊಳ್ಳುರೊ!

ಫಾ। ವಿವಿಯನಾನ್ ಉದ್ಕಾಚೊ ತಾಂಬ್ಲೆರ್ ವೊಂಟಾಂಕ್ ತೆಂಕ್ಲೊ. ಭಾಯ್ ಮಾಣ್ಕೆ ಪಾವ್ಸಾಚ್ಯಾ ಯೆಣ್ಯಾಕ್ ರಾಕೊನ್ ಬೊಬೊ ಘಾಲ್ತಾಲೆ. ಮಾಣ್ಕೊ! ಬಾಂಯ್ತ್ಲೊ ಯಾ ಸಾಗೊರಾಂತ್‌ಲೊ!

ತಫಾವತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಜಿವಿಚೆರ್ ಆಮಿ ಕಾಣ್‌ಯೊ ರಚ್ತಾಂವ್, ಸಾಗೊರಾಂತ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕೊ ಉಂಚ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಮಿ ದಾಕಯ್ತಾಂವ್, ಆನಿ ಬಾಂಯ್ತ್‌ಲೊ ಕೀಳ್ ಮ್ಹಣ್ ಅಮಿ ವೊಪಾರ್ಯಾಂನಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಶಿಕಯ್ತಾಂವ್!

ಬಾಂಯ್ ತೀ ಲ್ಹಾನ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ, ಪುಣ್ ತಾಚಿ ಗುಂಡಾಯ್, ತಾಂತ್ಲೆ ಫಾತೊರ್, ಮಾತಿ ಆನಿ ಕುಸಡಾಯ್ ತೊ ಪರಿಪೂರ್ಣ್ ವಳ್ಕೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾ ತರ್ ಸಾಗೊರಾಂತ್ಲೊ ಮಾಣ್ಕೊ ಅಪ್ಲೆಂ ಹರ್ದೆಂ ಬಡವ್ಸ್ ಅಪ್ಲೊ ವ್ಹಡ್ ಸಂಸಾರ್ ದಾಕಯ್ತಾ ಪುಣ್ ತಾಂತ್ಲಿ ಗುಂಡಾಯ್, ತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಜಿವಿ ತೊ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಸಕ್ತಲೊಗಿ?

ತರ್ ಹಿ ಉಂಚಾಯ್ ಕೊಣೆ ದಿಲ್ಲಿ?

ಫಾ। ವಿವಿಯನಾನ್ ದೀರ್ಗ್ ಶ್ವಾಸ್ ಸೆವ್ಲೊ. ಅಚಾನಕ್ ತಾಚೆಂ ನಡ್ತೆಂ. ತಾಚೆಂ ಚಿಂತಪ್ ತಶೆಂಚ್ ತಾಚಿ ಮಾನಸಿಕ್ ಸ್ಥಿತಿ ಬದ್ಲಾಲ್ಲಿ!

"ಹಾಂವ್ ಪಿಸೊ ಜಾಂವ್ಕ್‌ನಾಮೂ!?" ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾಚ್ ವಿಶ್ಲೇಶಣಾಕ್ ದೆವ್ಲೊ. ತತ್ವ್‌ಶಾಸ್ತ್ರಾ ವಿಶಿಂ ಎಕ್ ದಾಟ್ ಬೂಕ್ ವಾಚುನ್ ತಾಣೆ ದಾಂಪ್‌ಲ್ಲೊ ತರೀ. ಥೊಡೆಂ ಅಪ್ಲಾಚೆ ಜಿಣ್‌ಯೆಂತ್ ಅಪ್ಲಾಂವ್ಕ್ ತೊ ತಯಾರಿ ಕರ್ತಾಲೊ.

ತೊ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಆಶೆಲ್ಲೊ! ಆನಿ ಸಾದ್ಯ್ ತರ್ ತಾಣೆ ಶಿಕವ್ನ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ ಲೊಕಾ ಥಂಯ್.

ಸನ್ವಾರಾಚಿ ರಾತ್ ಉತ್ರೊಂಕ್ ಆನಿ ಥೊಡಿಂಚ್ ವೊರಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಆಯ್ತಾರಾಚಿ ಮಿಸಾಚಿ ತಯಾರಾಯ್ ಕರುಂಕ್... ಆನಿ ತೊ ನಿದೆಕ್ ಆಶೆಲೊ.

ಡಾಂಯ್... ಡಾಂಯ್...

ಸಾಡೆ ಪಾಂಚ್ ವೊರಾರ್ ಪಯ್ಲಿ ಘಾಂಟ್ ಮಾರ್ತಾನಾ ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ವೆ ನಿದೆಥಾವ್ನ್ ಜಾಗೊ ಜಾಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ಅಪ್ಲಿ ಸಕಾಳಿಂಚಿ ದಿನಚರಿ ತಿರ್ಸುನ್ ತೊ ಇಗರ್ಜೆಕ್ ಪಾವ್ತಾನಾ ಆಧ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ವಿಶಿಸ್ಟ್ ಚಿಂತ್ಪಾಂಕ್ ತೊ ದೆಗೆನ್ ದವರುಂಕ್ ಸಕ್ಲೊನಾ. ಪ್ರುರಾಸಣ್

ಯಾ ನೀದ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆ ರಾತಿಚಿ ಆಳ್ಸಾಯ್ ತಾಚೆಥಂಯ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ ತರೀ ತಾಚೆ ದೊಳೆ ಚಿಕ್ಕೆ
ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ವರ್ಣಾಕ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲೆ.

"ಬಾಪಾಚೆ... ಪುತಾಚೆ.... ಆನಿ ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮ್ಯಾಚೆ ನಾಂವಿಂ.." ವಿಗಾರಾನ್ ತಶೆಂಚ್ ಸಯ್ತ್ರ್ಯಾ ಪಾದ್ರ್ಯಾಬಾಂನಿ ಮಿಸಾಚಿ ಸುರ್ವಾತ್ ಕೆಲ್ಲಿ.

ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಕಂತಾರಿಸ್ತಾಂ ಸಂಗಿಂ ತಾಂಚೊ ಮುಖಿ ಜಾವ್ನ್ ಮೈಕ್ರೋಫೊನಾ ಮುಕಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ...

ಮೀಸ್ ಮುಖಾರುನ್ ವೆತಾಲೆಂ...

ಏಕ್ ದೀರ್ಘ್ ದೀಶ್ಟ್!

ಏಕ್ ದೀಶ್ಟ್ ತಾಣೆ ಜಮ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಲೊಕಾಚೆರ್ ಚರಯ್ಲಿ.

ಮಂದ್ ಹಾಸೊ ತಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಉದೆಲ್ಯೊ.

ತೆ ಜಿಳ್ಮಿಳ್ಚೆ ವೀಜ್ ದಿವೆ ವಜ್ರಾಂಚ್ಯಾ ಘೊಸಾಬರಿಂ...

ತೊ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತ್ ಸುರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕಿರ್ಣಾವರಿಂ... ತೆ ಝುರಿಂಚೆ ಲೋಬ್.... ತೆ ಆವಾಜ್ ದಿಂವ್ಚೆ ಚಲ್ಯಾಂಚೆ ಮೊಚೆ... ವೊಂಟಾರ್ ತಾಂಬ್ಡೊ ಗುಲೊಬಿ ಕೃತಕ್ ರಂಗ್.. ತಿಂ ಸೊಬಿತ್ ಸುಂದರ್ ಕಾಂಜೀವರಮ್ ಕಾಪ್ಡಾಂ.. ಆನಿ ಮೊಲಾದಿಕ್ ಪರ್ಫ್ಯೂಮಾಂ.. ಆಲ್ತಾರಿ ಬದ್ಲಾಕ್ ಎಕ್ಲ್ಯಾಚೆರ್ ಎಕ್ಲ್ಯಾಚಿ ನದರ್.. ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯೆಚಿ ಧಾಂವ್ ದಾಕಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಫ್ತ್ಯಾಂತ್ ಎಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ರಾಕೊನ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ.

'ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್' ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ಬಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಜಮ್ಲ್ಲೊ ಜಮೊ! ಏಕ್ ಶೋ ರುಮಾಂತ್ಲಿ ಬಾವ್ಲಿ ಯಾ ಫೆಶನ್ ಶೋಚಿ ಮೊಡೆಲ್!

ಕಾಲ್ ಭೆಟಯ್ತಾನಾ ಪೊರ್ಬಿಕೆ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಸಿಗ್ರೆಟಿಂಚೊ ಭಾರೀಕ್ ಧುವೊರ್, ಇಜ್ಮೊಲಾಚೆ ವಾಟ್ಲೆಮುಕಾರ್. ಫಾರಿಜೆವಾನ್ ಮಾಗ್ಲ್ಯಾಬರಿಂ ವಿಸಾಂಚೊ ನೋಟ್ ಪನ್ನಾಸ್ ಲೊಕಾಮುಕಾರ್ ದಾಕವ್ನ್ ಗಳಂವ್ಚೆ ಉಜ್ವೆ ಆನಿ ದಾವೆ ಹಾತ್... ಮಾರ್ಬ್ಲಾಚೆ ಪೊಳ್ಯೆರ್ ಕಾಳ್ಯಾ ಅಕ್ಷರಾಂನಿ ಕಾಂತಯಿಲ್ಲಿಂ ದಾನ್ ಧರ್ಮಾಚಿಂ ನಾಂವಾಂ..

"ಮ್ಹಜಿ ಗರ್ಜ್ ತಿರ್ಸಲ್ಯಾರ್ ನಿತ್ಯಾದಾರ್ ಮಾಯೆಕ್ ಏಕ್ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಚೇಯ್ನ್" ಸಾಯ್ಬಿಣಿ ಕಡೆನ್ ಕರ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚೊ ಸೊಲ್ಲೊ.

ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಬಾರೀಕ್ ಕಾಂಪೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಏಕ್ ವಿಚಿತ್ರ್ ಸಕತ್ ತಾಚೆಥಂಯ್ ಖಿಣಾಖಿಣಾಕ್ ಬಳ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲಿ.

ದೆವಾಳಾಂತ್ ವೆಪಾರ್!

ದೆವಾಳಾಂತ್ ವೆಪಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಸೊಮಿಯಾನ್ ಚಾಬೂಕ್ ಚಲಯಿಲ್ಲಿ. ಪವಿತ್ರ್ ಜಾಗೊ ಧ್ವಂಸ್ ಜಾತಾನಾ ಮೊಗಾಳ್ ಸೊಮಿ ನಿಶ್ಠುರ್ ಜಾಲ್ಲೊ!!

ಸೊಮಿ ಜೆಜು! ಜುದೆವಾಂಚೊ ರಾಯ್!!

ಫಾ। ವಿವಿಯನಾಚೆ ದೊಳೆ ಏಕ್ ಘಡಿಭರ್ ಉಮ್ಕಳ್ಚ್ಯಾ ಖಿರ್ಸ್ತಾಚೆರ್ ಚರ್ಲೆ.

ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ಕಿರೀಟ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ ಕಾಟ್ಯಾಂಚೊ ಮುಕುಟ್! ವೊಂಟಾರ್ ಲಿಪ್‌ಸ್ಟಿಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ ಪುಣ್ ರಗ್ತಾಚಿ ಝುರ್ ಆಸ್ಲಿ! ಅಂಗಾರ್ ಪರ್ಫ್ಯೂಮ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ ಪುಣ್ ಘಾಮ್ ಮಿಶ್ರಿತ್ ರಗ್ತಾಚಿ ಮೂರ್ ಆಸ್ಲಿ! ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಮೊಚೆ ನಾತ್ಲ್ಲೆ ಪುಣ್ ಏಕ್ ಬಳಾದಿಕ್ ಖಿಳೊ ಆಸ್ಲೊ!

"ನಾ! ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್!"

ದೆವಾಳಾಂತ್ ವೆಪಾರ್ ಆನಿ ನಿಶ್ಟುರ್ ಚಾಬೂಕ್!

ಫಾ। ವಿವಿಯನಾಚೆ ದೊಳೆ ಚಾಪೆಲಾಚೆ ವಣದಿಚೆರ್ ಚರ್‍ಲೆ. ಸೊಭಾಯೆ ಖಾತಿರ್ ದೋನ್ ಚಾಬೂಕ್ ವಣದಿಚೆರ್ ಖೊಂವವ್ನ್ ದವರ್‍ಲ್ಲೆ.

ಹಳ್ತಾರ್ ತಾಣೆ ತೆವ್ಶಿನ್ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ಲಿಂ.

ಸೊಭಿತ್ ಸುಂದರ್ ಚಾಬುಕಾಚೆರ್ ತಾಣೆ ಹಾತ್ ದವರ್‍ಲೊ. ಫಡ್ಯೆನ್ ಏಕ್ ಕ್ಷೀಣ್ ತಾಳೊ ತಾಚೆ ಥಂಯ್ ಬೊಬಾಟುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

"ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್"

ಕ್ಷೀಣ್ ತಾಳೊ ಆತಾಂ ಬೋವ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ.

ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ಹಿಂ ಸವಾಲಾಂ ಉದೆನಾಸ್ತಾಂ ರಾವ್ಲಿಂನಾಂತ್.

ಜುದೆವಾಂಚೊ ರಾಯ್! ಆನಿ ಫಾ। ವಿವಿಯನ್.

ತಫಾವತ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ!

ಹಾಂವ್ ಜೆಜುಕ್ ಸಮಾನ್‍ಗಿ ಅಪ್ಣಾಕ್‍ಚ್ ತೆ ಉಂಚಾಯೆರ್ ಬಸಂವ್ಕ್ ಹಾಂವ್ ಕೋಣ್ ಜಾವ್ನಾಸಾಂ!?

ಸೊಮ್ಯಾಚೆಂ ತೆಂ ಖುರ್ಸಾವಯ್ಲೆಂ ಮರಣ್ ಮ್ಹಜೆವರ್‍ವಿಂ ಸಾಧ್ಯ್!?

ಚಾಬೂಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿ.

ಮಾರ್‍ಚೆಂ ಕೊಣಾಕ್..?

ವಿಗಾರಾಕ್? ಲೊಕಾಕ್? ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾಚ್!?

"ತುಂ ತಾಂಚೆ ಮಧ್ಲೊ ಎಕ್ಲೊ ನ್ಹಯ್‍ಗಿ.?" ಪೆದ್ರುನ್ ಸೊಮಿಯಾಕ್ ನೆಗಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಹೆಂ ಸವಾಲ್ ಮ್ಹಜೆಥಂಯ್ ಉದೆಲೆಂ.

"ಖುರ್ಸಾಯ್ ತಾಕಾ ಖುರ್ಸಾಯ್"

ಫಾ। ವಿವಿಯನ್ ಘಾಮೆಲ್ಲೊ.ತಾಚೆ ಹಾತ್ ಕಾಂಪ್ತಾಲೆ. ತೊ ನಿತ್ರಾಣಿ ಜಾಲ್ಲೊ.

"ನಾ" ಬದ್ಲಾನಾತ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಲೊಕಾಕ್ ಬದ್ಲಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರೇತನ್ ಕರುಂಕ್ ನ್ಹಜೊ. ತಾಂಚೆ ಮದೆಂ ಆಮಿ ಭರ್ರೊಂಕ್ ಜಾಯ್. ವೆಳ್ ಯಾ ಕಾಳ್ ಬದಲ್ಲೊಲೊ ಪುಣ್ ಆಮಿ ಬದಲ್ಚೆನಾಂವ್.

ತೊ ಎಕ್ಲೊ ಮಾತ್ ಖುರ್ಸಾಚೆಂ ಮರಣ್ ಮರೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾ ಆನಿ ತಾಚೆಂ ವಜನ್ ವಾವಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಾ.

ಆನಿ ಆಮಿ ತ್ಯಾ ಮರ್‍ಣಾಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಆನಿ ಪಯ್ಸ್ ಧಾಂವ್ತಾಂವ್... ತೆ ಧಾಂವ್ಣೆಕ್... ಕ್ರೇಸ್ತ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ನ್ಹಯ್.." ಕ್ರೇಸ್ತಾಂವ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾಕ್!"

*** – ***

(ಪಯ್ಣಾರಿ, 2018)

ಸಿಧ್ಧಾಂತಾಂ

08:47

ಹೆರಿಟೇಜ್ ರೆಸಿಡೆನ್ಸಿಚ್ಯಾ ತಿಸ್ರ್ಯಾ ಮಾಳಿಯೆರ್, ಲಿಫ್ಟ್ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆತಾನಾ, ರಯನಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವೊಚಾಚೆರ್ ನದರ್ ಮಾರ್ಲಿ. ನಮ್ಯಾರ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾಪ್ರಾಸ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಪಾವ್ಲ್ಲೊ ತೊ.

ರೂಮ್ ನಂಬರ್ 303 ರೆಸ್ಟೋರೆಂಟಾಚ್ಯಾ ಕೆಬಿನಾಬರಿಂ ಸಜಯಿಲ್ಲೆಂ. ಉರುಟ್ ಮೆಜಾಭಂವ್ತಿಂ ಸ ಕದೆಲಾಂ ಮಾಂಡ್ಲ್ಲಿಂ ತರ್, ಎಕಾ ಕೊನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಎಲ್ ಸಿ ಡಿ ಪರ್ದೊ ಮೀಟಿಂಗ್ ರುಮಾಕ್ ಜೆವ್ಣಾಸಾಲಾಂತ್ ಬದ್ಲಿಲ್ಲ್ಯಾಚಿ ಗವಾಯ್ ದಿತಾಲೊ.

ಕೊನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಮಿನಿಬಾರಾಚ್ಯಾ ಪಾಕ್ಯಾಥಾವ್ನ್ ಜಳ್ಚೊ ಮಂದ್ ದಿವೊ. ಪೊಂದಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಿದೇಶಿ ಸೊರ್‍ಯಾಂ ಬಾಟ್ಲ್ಯಾಂ ವಯ್ರ್ ಪರ್ಜಳ್ತಾಲೊ. ತ್ಯಾ ಸೊಭಾಯೆ ಮುಖಾರ್ ಸುತಾರಾನ್ ನಾಜುಕ್ ಥರಾನ್ ಕಾಂತಯಿಲ್ಲೆಂ ರುಕಾಡಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ಅಪ್ಲೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಹೊಗ್ಡಾಯ್ಲ್ಲಾಂಶೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ.

ರಾಯನ್ ಬಸ್ಕಾ ಫೆವ್ನ್, ಗ್ಲಾಸಾಂತ್ ಭರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ನಿತಳ್ ಉದ್ಕಾಕ್ ಘೊಟ್ ಮಾರ್‍ನ್, ಫೊನಾಚೆರ್ ಬೊಟಾಂ ಚರಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾನ್ ತಾಕಾ ನೋವ್ ವರಾಂಚೊ ವೇಳ್ ದಿಲ್ಲೊ.

ರಾಯನ್ ಮಥಾಯಸ್!!

ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಪಂದ್ರಾ ವರ್ಸಾಂನಿಂ ಹೆಂ ನಾಂವ್ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾರ್ ವಳ್ಕಿಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಲ್ಹಾನ್ ಶ್ಹೆರಾಂತ್, ಲಗ್ಗ್ ಡಜನಾಭರ್ ಬಾಂದ್ಪಾಂ ತಾಚೆವರ್ವಿಂ ಉಬಿಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಮದ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಗಾಚ್ಯಾ ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್ ಪಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಮೊಲಾಕ್ ತೊ ಫ್ಲ್ಯಾಟಾಂ ತೊ ವಿಕ್ತಾಲೊ. ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಕ್ ಏಕ್ ಪಾತ್ಯೆಣೆಚೊ ಬಾಂದ್ಪಿ ಮ್ಹಣ್ ಫಾಮಾದ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಕ್ ಪುರ್ತೆಂ ಮೋಲ್ ಮ್ಹಣ್ ಲೋಕ್ ಸಮ್ಜಾಲ್ಲೊ.

ಎಕಾ ಉತ್ರಾನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್, ರಿಯಲ್ ಎಸ್ಟೇಟ್ ವೆಪಾರಾಂತ್, 'ಡ್ರೀಮ್ಸ್ ಕನ್‌ಸ್ಟ್ರಕ್ಷನ್ಸ್' ಹಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಉಂಚಾಯೆಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ಲೊ.

ತುರ್ತ್ ಮಿಟಿಂಗ್ ಮ್ಹಳ್ಯೆಪರಿಂ, ಫಕತ್ ಎಕಾ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾನ್ ಆವ್ದೆಭಿತರ್ ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾನ್ ತಾಕಾ ಆಪವ್ಣೆಂ ಧಾಡ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾಚ್ಯಾ ದಿಷ್ಟಿಂತ್ ಹೆಂ ಏಕ್ ಮಿಟಿಂಗಾಪ್ರಾಸ್ ಎಕಾ ಥರಾಚ್ಯಾ ಸೊಲ್ಲ್ಯಾಚಿ ತಯಾರಾಯ್.

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್!!

ಹ್ಯಾ ನಾಂವಾಕ್ ಹ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಂತ್ ವಳ್ಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಕೊಣ್‌ಯೀ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ನಾಂವಾಡ್ಲಿಕ್ 'ನ್ಯುರೋ ಸರ್ಜನ್' ಮ್ಹಣ್ಜೆ ಮೆಂದ್ವಾಚೆಂ ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ತಾಚೆ ತಿತ್ಲೊ ಚತುರ್ ಕೊಣ್‌ಯೀ ಹ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಂತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ತಾಚೆಹಾತಿಂ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ ಕೇಸ್ ಆನಿ ಕೊಣಾ ಥಾವ್ನ್‌ಯೀ ಜಾಯ್ನಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಮದ್ಲ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆಚೊ ತರೀ ತಾಚ್ಯಾ

ಅನ್ಭೋಗ್ ಆನಿ ಜಾಣ್ವಾಯೆನ್ ಸಬಾರ್ ಪಿಡೆಸ್ತಾಂಕ್ ಮರ್ಣಾಚ್ಯಾ ದಾವ್ಲೆ ಥಾವ್ನ್ ಬಚಾವಿ ತಾಣೆಂ ದಿಲ್ಲಿ. ತಾಚೆಂ ವೆಕ್ತಿತ್ವ್ ವಿಶಿಷ್ಟ್. ತರ್ನ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾಂಕ್ ತೊ ಏಕ್ ಡಾಯ್ನಾಮಿಕ್ ಹೀರೊ. ನ್ಯೂರೊ ಸರ್ಜರಿಂತ್ ಸನದ್ ಜೊಡ್ಚ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾಂಕ್ ತಾಂಚೆಬರಿಂ ನಾಂವಾಡ್ದೀಕ್ ಜಾಂವ್ಚಿ ಆಶಾ. ತಾಚಿ ವಯಕ್ತಿತ್ ಜಿಣಿ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಸೀನಿಮೀಯ್ ಪಾತ್ರಾಚೆಂ ಚಿರಣ್ ತಶೆಂ ಭಗ್ತಾಲೆಂ. ಒಪರೇಶನ್ ಕರ್ತಾ ಮ್ಹಣ್ ಸರ್ವಾಂ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿಂ. ಸಿಗ್ರೆಟಿಚಿ ಘಾಣ್, ತಾಚ್ಯಾ ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಯಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾನಾ ನಾಕಾಕ್ ಆದಾಳ್ತಾಲಿ. ಒಪರೇಶನ್ ಥಿಯೇಟರಾಂತ್ ಗುಟ್ಕ್ಯಾ ಯಾ ಪಾನ್ ಖಾತಾಸ್ತಾನಾ, ಥುಕ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಯ್ದಾನ್ ಧರುಂಕ್ ನರ್ಸಾಂ ಯಾ ಶಿಕ್ಚ್ಯಾ ದಾಕ್ತೆರಾಂಕ್ ನಮ್ಯಾರ್ತಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಖಬರ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ತಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ವಚೊನ್ ಪಯ್ಸ್ಯಾಂಚಿ ಥಯ್ಲಿ ದೀನಾಸ್ತಾಂ, ಒಪರೇಶನಾಕ್ ಆಯ್ಕನಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ತಾಚೆರ್ ದುರಾಂ ಆಸ್ಲ್ಲಿಂ.

ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಯಾ ಯಶಸ್ವೆ ಥಂಯ್ ಬೋಟ್ ಜೊಕಿನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ತಸಲೆಂ ಅಧ್ವೆಂಚ್ ವೆಕ್ತಿತ್ವ್ ತಾಂಚೆಂ!

ರಾಯಾನ್ ಆನಿ ನರೇಶ್!!

ವಿದೇಶಿ ವಿಸ್ಕೆಚೆ ಬರ್ಫಾನ್ ಭರ್ಲ್ಲೆ ಗ್ಲಾಸ್, ಸಂಸಾರಿಕ್ ಉಲವ್ಣ್ಯಾಣ್ ಮುಖಾರುನ್ ಗೆಲೆ. ದುಸ್ರೆ ಪಾವ್ಟಿಂಚ್ಯಾ ಗ್ಲಾಸಾರ್ ಗಂಭೀರ್ ಉಲವ್ಣೆಂ ಸುರು ಕರ್ಜೆ ಮಧೆಂ ಮೊಬಾಯ್ಲ್ ಫೊನಾಂನಿ ಅಡ್ಕಳ್ ಹಾಡ್ಲ್ಲಿ.

ಮಾನೆಸ್ತ್!!

ಶ್ಹೆರಾಚೆ ದೋಗ್ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಎಕಾ ಸೊಲ್ಲ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಮೆಜಾ ಭಂವ್ತಿಂ ಜಮ್ಲ್ಲೆ. ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಗೂಂಡ್ ಇಶ್ಟಾಗತ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿ ತರೀ ಎಕಾಮೆಕಾಕ್ ತೆ ದೊಗೀ ಭಿಲ್ಕುಲ್ ಅಪರಿಚಿತ್ ನ್ಹಯ್. ಲಯನ್ಸ್ ಕ್ಲಬಾಚ್ಯಾ ಪಾರ್ಟೆವೆಳಿಂ ತೆ ಸಭಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಮೆಳ್ಲ್ಲೆ.

ತಿಸ್ರೊ ಪೆಗ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲೊ!

ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಚಡ್ತಾವ್ ಮೀಟಿಂಗಾಂಕ್ ಸೊರ್ಯಾನ್ ಬರ್ಜ್ರ್ ರಂಗ್ ಹಾಡ್ಲ್ಲೊ! ಹರ್ಯೆಕಾ ತರ್ಕಾಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್, ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಅಭಿಪ್ರಾಯೊ ಆನಿ ಅಖ್ರೇಕ್ ಎಕಾ ತಾಳ್ಯಾನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ನಿರ್ಧಾರಾಂತ್ ವಿಸ್ಕೆಚೊ ಪಾತ್ರ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ. ಸಬಾರ್ ಸೊಲ್ಲೆ ಜಾಲ್ಲೆ.

"ಆಮಿಂ ಆತಾಂ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ಉಲವ್ಯಾಂ" ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾನ್ ಆಪ್ಲೊ ಮೊಬಾಯ್ಲ್ ಸ್ವಿಚ್ ಒಫ್ ಕರ್ಚೆಸಂಗಿಂ ರಾಯನಾಚೆರ್ ಏಕ್ ಮಟ್ವಿ ದೀಶ್ಟ್ ಘಾಲಿ ಆನಿ ಒಶಾರೊ ಸಮ್ಜಲ್ಲ್ಯಾ ರಾಯನಾನ್ ಅಪ್ಲೊ ಫೋನ್ ಬಂಧ್ ಕರ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ದವರ್ಲೊ.

"ಶ್ಹೆರಾಂತ್ 'ಸಂಜೀವಿನಿ ಮಲ್ಟಿ ಸ್ಪೆಶ್ಯಾಲಿಟಿ ಹೊಸ್ಪಿಟಲ್' ಹಾಚಿ ಯೆವ್ಜಣ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲಿ ತಿ ತುಂ ಬರ್ಯಾನ್ ಜಾಣಾಂಯ್. ತ್ಯಾ ಹೊಸ್ಪಿಟಲಾವಿಶಿಂ ಚಡಿತ್ ತುಕಾ ಸಮ್ಜಾಂವ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್ಚಿನಾಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಹಾಚೆವಿಶಿಂ ಹರ್ಯೆಕಾ ಥರಾನ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಸಬಾರ್ ಸಿವಿಲ್ ಕನ್‌ಸ್ಟ್ರಕ್ಶನ್ ಕಂಪೆನ್ಯಾಂ ಪಯ್ಕಿ ತುಜ್ಯಾ ಕಂಪೆನಿನ್ ಆಸಕ್ತ್ ದಾಕಯಿಲ್ಲಿ ಹಾಕಾ ಸಾಕ್ಸ್." ದಾಕ್ತೆರಾನ್ ವ್ಹಡ್ ಏಕ್ ಘೊಟ್ ಮಾರುನ್ ಮುಖಾರಿಲೆಂ.

"ಹಿ ಆಸ್ಪತ್ರ್ ಹ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಂತ್ ಸರ್ವ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂ ಪ್ರಾಸ್ ಚಡಿತ್ ಪಿಡೆಸ್ತಾಂಕ್ ಸೇವಾ ದಿಂವ್ಚಿ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ ಅತ್ಯಾಧುನಿಕ್ ಸವ್ಲತ್ಯಾಂನಿ ಭರ್ಲ್ಲಿ ಆಸ್ತಲಿ. ತೆಗಾಂ ಭಾಗಿದಾರಾಂ ಮಧೆಂ ಹಾಂವ್ ಎಕ್ಲೊ ಆನಿ ದೋಗ್ ಭಾಗಿದಾರ್ ವಿದೇಶಿ ಜಾಲ್ಯಾನ್ ಆನಿ ತಶೆಂಚ್ ತೆ ವಯ್ಲ್ಯಾಕೀಯ್

ಶೆತಾಂತ್ಲೆ ನ್ಹಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ನ್. ಬಾಂದ್ಪಾಚ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾಥಾವ್ನ್ ಆಡಳ್ತೆಂ ಚಲಂವ್ಚ್ಯಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಸರ್ವ್ ಜವಾಭ್ದಾರಿ ಮ್ಹಜಿಚ್"

"ಮಟ್ಯಾರ್ನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ಹೆಂ ಕೊಂಟ್ರಾಕ್ಟ್ ತುಕಾ ಮೆಳ್ಚೆಬರಿಂ ಕರ್ಚೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸಾ. ಹಾಚೊ ಮತ್ಲಬ್ ಹೊ ನ್ಹಯ್ ಕಿ ತುವೆಂ ಸರ್ವಾಂಪ್ರಾಸ್ ಉಣೆಂ ಕೊಟೇಶನ್ ದಿಲಾಂಯ್ ಯಾ ಉರ್ಲ್ಲ್ಯಾಂ ಪ್ರಾಸ್ ತುಂ ಊಂಚ್ ಮ್ಹಣ್ ಭಿಲ್ಕುಲ್ ನ್ಹಯ್."

ದಾಕ್ತೆರ್ ಆಪ್ಲೊ ಚಸ್ಮಾ ಎಕಾ ಬೊಟಾನ್ ಪಾಟಿಂ ಲೊಟುನ್ ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ರಾಯನಾಕ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

"ತಶೆಂ ತರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಂಪೆನಿಕ್ ವಿಂಚ್ಯಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಮತ್ಲಬ್ ಮ್ಹಣ್ ಜಾಣಾಂ ಜಾವ್ಯೆತ್‌ಗಿ?' ರಾಯನಾನ್ ಇರಾದೊ ಸಮ್ಜೊಂಚೆಂ ಪ್ರೇತನ್ ಕೆಲೆಂ.

"ಥೊಡಿಂ ಬಾಂದ್ಪಾಂ ತುವೆಂ ಉಬಾರ್ಲ್ಯಾಂಯ್. ತುಂ ಹ್ಯಾಚ್ ಶ್ಹೆರಾಚೊ ಆನಿ ವಳ್ಕೆಭಿತರ್ಲೊ. ಇತ್ಲ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ತುಂವೆಂ ಹಾತಿಂ ಧರ್ಲ್ಯಾರ್ ತುಕಾ ಹ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಂತ್ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್. ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಂನಿ ನಾಂವ್ ಯೆತಲೆಂ. ತುಕಾ ಹಾಚೆಪ್ರಾಸ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾಕ್ ಪಾವಂವ್ಚಿ ಶ್ಯಾಥಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಸಾ. ಎಕಾಮೆಕಾಚೊ ಗರ್ಜ್ ತುಂ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾಯ್" ದಾಕ್ತೆರಾನ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಜಳಯ್ಲಿ.

ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ವೆವ್ಹಾರಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಕ್ ದಾಕ್ತೆರ್ ಬದ್ಲೆಕ್ ಕಿತೆಂಗಿ ಆಶೆತಾ ತೆಂ ಖಚಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. "ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಆಶೆತಾಯ್?" ಕಪಲಾರ್ ಮಿರಿಯೊ ಫಾಲ್ನ್ ವಿಚಾರ್ಲೆಂ ತಾಣೆಂ.

"ಹ್ಯಾ ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟಾಂತ್ ತುಕಾ ಪಾಂಚ್ ಕೊರೊಡಾಂಚೊ ಮುನಾಫೊ ಆಸಾ. ತಾಚೆ 10% ಮ್ಹಣ್ಜೆ ಪನ್ನಾಸ್ ಲಾಖ್. ಕಮಿಶನಾ ಲೆಕಾರ್" ದಾಖ್ತೆರಾನ್ ನೀಟ್ ಪ್ರಸ್ತಾಪ್ ಮುಕಾರ್ ದವರ್ಲೊ.

"ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್. ತುಂ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಜಾಣಾಂಯ್. ಆಮ್ಚಿ ಕಂಪನಿ ಕೊಂಟ್ರಾಕ್ಟ್ ವಾಂಕ್ಡ್ಯಾ ವಾಟಾಂನಿ ಆಪ್ಲಾಂವ್ಕ್ ವಚಾನಾ. ಆಮಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕೊಟೇಶನಾಂತ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಕಾಲೆತಿಚ್ಯಾ ಸಾಹೆತಿಚೆಂ ಘಾವೊ ತೆಂ ಮೋಲ್ ದಾಖಯ್ಲಾಂ. ಆನಿ ತುವೆಂ ಸಾಂಗ್ಚೆತಿತ್ಲೊ ಮುನಾಫೊ ಖಂಡಿತ್ ನಾ"

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್ ಝುಡ್ ಲಾಯ್ತಾನಾಂಚ್ ಘಳ್ ಲುವೊಂಕ್ ಪಳೆತಾಲೊ.

"ರಾಯನ್ ವೆವ್ಹಾರಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚೊ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವೆಂ ಲೆಖ್‌ಲ್ಲೆಂ' ಗುಟ್ಕ್ಯಾಚಿ ಪಕೆಟ್ ತಾಳ್ಯಾಂತ್ ದೆಂವಯ್ತಾನಾ. ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್. ಎಕಾ ವಯ್ಲ್ಯಾಪ್ರಾಸ್. ಆಂಗ್ದಿಂತ್ಲ್ಯಾ ಬನಿಯಾಪರಿಂ ದಿಸೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

"ವೆವ್ಹಾರ್ ಮ್ಹಜೊ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್. ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜಿಂಚ್ ಮ್ಹಳಿಂ ಸಿದ್ಧಾಂತಾಂ ಆಸಾತ್. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ಹ್ಯಾ ಶ್ಹೆರಾಕ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾಚಿಂ ಘರಾಂ ಆನಿ ರಾವ್ರೆರಾಂ ಆಮಿ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಲ್ಯಾಂವ್. "

"ರಾವ್ರೆರಾಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ವಸ್ತಿಖಾತಿರ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ತುಂ ಆಸ್ತತ್ ಬಾಂಧ್ತಾಯ್. ಆನಿ ಆಸ್ತ್ರೆಂತ್ ಕೊಣ್‌ಂಚ್ ರಾವೊಂಕ್ ಆಶೆನಾ. ಘರಕ್ ತುಂ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಸಕ್ತೊನಾಂಯ್" ದಾಕ್ತೆರ್ ರಾಜಾಂವ್ ಉಲಯ್ತಾಲೊ.

ಎಕಾ ನಾಂವಾಡ್ಡಿಕ್ ದಾಕ್ತೆರಾಚೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ರಾಯನಾಚೊ ನಿರ್ಧಾರ್ ದಂಡಳಾಂವ್ಕ್

ಸಕ್ಲೆಂನಾ.

ತಾಕಾ ಸೊಲ್ಲೊ ಮಂಜೂರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ!!

ತಾಚೆ ಥಂಯ್ ತಾಚೆಂಚ್ ವೆಕ್ತಿತ್ವ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತೆಂ ನಾಸ್ ಕರುಂಕ್ ನಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

"ಚಡಿತ್ ಮುನಾಫ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಒಪರೇಶನಾವೆಳಾರ್ ತುಮಿಂ ವಾಪಾರ್‍ಚ್ಯ್ಯಾ ಸಾಹೆತಿ ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಕುಡಿಂಭಿತರ್ ದವರ್‍ಚ್ಯ್ಯಾ ನಕ್ಲಿ ಭಾತ್ ತುಮಿಂ ಕೀಳ್ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯೊಚ್ ವಾಪಾರ್‍ತಾತ್‌ಗಿ ಮ್ಹಣ್ ದುಬಾವ್ ಭಗ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ "ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಚವ್ತ್ಯಾ ಪೆಗ್ಗಾಥಾವ್ನ್ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾಂಚ್ ಸವಾಲ್ ಉಟಯಿಲ್ಲೆಂ.

"ತುಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ದೈವೀಕ್ ಕಾಮಾಚೆರ್ ಬೋಟ್ ಜೊಕ್ತಾಯ್"

"ತುಜೊ ನಿರ್ಧಾರ್ ಅಖ್ರೇಚೊಗಿ? ಚಿಂತುನ್ ಪಳೆ" ದಾಕ್ತೆರಾಚೊ ಫೋನ್ ಸಾಯ್ಲೆಂಟ್ ಮೋಡಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್‌ಯೀ ತೀನ್ ಮಿಸ್ಡ್ ಕೋಲ್ಸ್ ದಾಕಯ್ತಾಲೆಂ.

"ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಿದ್ಧಾಂತಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಮೆಕ್ಳೊ ಜಾಂವ್ಚೊನಾಂ" ರಾಯನಾನ್ ಖಚಿತ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

"ತುಂ ಆನಿ ತುಜಿಂ ಸಿದ್ಧಾಂತಾಂ. ತುಂಚ್ ದವರ್, ವಾಟೊ ಸಬಾರ್ ಆಸಾತ್" ನರೇಶಾನ್ ಫೋನ್ ಉಬಾರ್‍ಲೊ. "ಭೋವ್‌ಶ್ಯಾ ಆಸ್ಪತ್ರೆ ಥಾವ್ನ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ"

ಎಕಾ ಕೊನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಚಮ್ಕೊನ್ ತಾಣೆಂ ವಿವರ್ ಘೆಂವ್ಚೊ ಪಳೆವ್ನ್ ರಾಯನಾಕ್‌ಯೀ ಘರಾ ವಚೊಂಕ್ ತಡವ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾನ್ ಜಾಂವ್, ಪ್ರಾಯ್, ಖಂಯ್ಚರ್ ಆನಿ ಕೆದಾಳಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ವಿವರ್ ಘೆವ್ನ್ ಜಾತಾನಾ, ರಾಯನಾಕ್‌ಯೀ ಘರಾಥಾವ್ನ್ ಫೊನಾಂ ಯೇಂವ್ಕ್ ಸುರು ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಪುಣ್ ತಾಣೆಂ ಚಿಂತ್‌ಲ್ಲೆಪರಿಂ ಬಾಯ್ಲೆಚೆಂ ಫೋನ್ ನ್ಹಯ್.

ರೀಮಾ!!

ತಾಚಿ ಭಯ್ಣ್. ಫಟಾಫಟ್ ಕೊಲ್ ಕರ್‍ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಫೋನ್ ಕಾನಾಕ್ ದವರ್‍ನ್, ಬಾಗ್ಲಾಭಾಯ್ರ್ ಹೊಟೆಲಾಚ್ಯಾ ಕೊರೊಡೊರಾಂತ್ ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರಿಲಾಗ್ಲೊ.

ರೀಮಾ ಕಾವ್ಜೆಲ್ಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂ ಮಧೆಂ ರಡ್ಣ್ಯಾಚೊ ಆವಾಜ್ ಚಡಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಸಮೀರ್ ಅಪ್ಘಡಾಂತ್ ಗಂಭೀರ್ ಥರಾನ್ ಘಾಯೆವ್ನ್, ಅಥೇನ್ಸ್ ಹೊಸ್ಪಿಟಲಾಚ್ಯಾ ತುರ್ತ್ ವಿಭಾಗಾಂತ್ ಆಸಾ. ತಾಚೆಂ ಬಾಯ್ಕ್ ಲೊರಿಯೆಕ್ ಆಪ್ಣೊನ್ ಮಾತ್ಯಾಕ್ ಗಂಭೀರ್ ಮಾರ್ ಜಾಲಾ. ಕೋಮಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಫೊನಾ ಥಾವ್ನ್ ಪೊಲಿಸಾಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಖಬರ್ ದಿಲ್ಲಿ. ಕಶೆಂ ಪುಣಿ ಕರ್‍ನ್ ತಾಕಾ ವಾಂಚಯ್. ತಾಚೆವೀಣ್ ಹಾಂವ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಚಿಂನಾ" ರೀಮಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ ವಿಶೇಸ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಏಕ್ ಲಾಂಬ್ ಶ್ವಾಸ್ ಸೆವ್ಲೊ ತಾಣೆಂ

ಕಪಲಾರ್ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಿರಿಯಾಂಕ್ ಬೊಟಾಂನಿ ಖೊರ್‍ಪಿಲೆಂ.

ಸಮೀರ್!!

ರೀನಾಚೊ ಕ್ಲಾಸ್‌ಮೇಟ್ ಜಾವ್ನ್ ಈಶ್ಟ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಈಶ್ಟ್ ಕ್ರಮೇಣ್ ಬೋಯ್‌ಫ್ರೆಂಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲೊ.

ಸಳಾವಳ್ ಘರಾ ಭೇಟ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ, ಬಾಯ್ಕಾರ್ ಭಂವ್ಚೆ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿ.

ಸಿವಿಲ್ ಇಂಜಿನಿಯರಿಂಗಾಂತ್ ಸನದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಕ್ಷಣ್ ರೀನಾನ್ ತಾಕಾ ಕಂಪೆನಿಂತ್ ಫೆಂವ್ಕ್ ಒತ್ತಾಯ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ರೀನಾಚ್ಯಾ ಖುಶೆಕ್ ಖಾಲ್ ಜಾವ್ನ್ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ ಸಮೀರಾಚ್ಯಾ ಆಕರ್ಶಿಕ್ ವೆಕ್ತಿತ್ವಾಂತ್. ಉಂಚ್ಲೊ ಫುಡಾರ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲೊ.

ಅಶೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ರಾಯನಾನ್ ತಾಕಾ "ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟ್ ಇನ್‌ಚಾರ್ಜ್" ಜಾವ್ನ್ ನೆಮಿಯಾರ್‌ಲ್ಲೊ.

ರಾಯನಾಚೆಂ ಲೇಖ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಚುಕ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ದಿಸಾನ್‌ದೀಸ್ ಚಡತ್ ವೆಚ್ಯಾ ವೇಳ್ ರಾತಿಂ ಪರ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಪಾರ್ಟ್ಯಾಂವರ್ಿಂ ತಾಚೆಂ ಗುಮಾನ್ ಜವಾಭ್ದಾರೆ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ವರುಂಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹಾಚೆ ಪಯ್ಲೆಂಯ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ತೊ ರಸ್ತ್ಯಾ ಅವ್ಘಡಾಂತ್ ಸಾಂಪ್ಡಲ್ಲೊ ತರೀ ಮತಿಕ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ತೀನ್ ಚ್ಯಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಹೊಟೆಲಾಂನಿ ಪಿಯೆಂವ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆಮಾಲಾರ್ ಗಲಾಟೊ ಕರ್ನ್ ಮಾರ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆ.

ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಪೊಲಿಸಾಂಚೊ ಸಯ್ರೊ ಜಾಲ್ಲೊ!

ಆಮಾಲಾರ್ ಗಾಡಿ ಚಲವ್ನ್ ಎಕಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಚೊ ಪಾಂಯ್ ಮೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಕೊಡ್ತಿಂತ್ ಕೇಜ್ ಚಲ್ತಾಲಿ.

ಕಂಪನಿಚ್ಯಾ ಲೆಖಾಂತ್ ಗಡ್ಬಡ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲಿ.

ಸಿಮೆಂಟ್ ಸಪ್ಲಾಯರಾ ಥಾವ್ನ್ ಕಮಿಶನ್ ಘೆವ್ನ್ ಕಂಪೆನಿಚೊ ಮುನಾಫೊ ಫಾರ್ತಾಲೊ ಮಾತ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ ನಾಂವ್ ಪಾಡ್ ಕರ್ತಾಲೊ.

ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ನ್ಹಯ್ ಆಸ್ತಾಂ. ಆಯ್ಲೆವಾರ್‌ಚ್ ಪ್ರತಿಸ್ಪರ್ಧಿ ಕಂಪೆನಿಸವೆಂ ಹಾತ್ ಮೆಳೊವ್ನ್ ಆಸಾ ಮ್ಹುಣ್ ರಾಯನಾಕ್ ಕಳೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ.

ಹ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಸಂಗ್ತಿವಿಶಿಂ ರಾಯನ್ ತಾಕಾ ಚತ್ರಾಯ್ ದಿಲ್ಲಿ. ತಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್‌ಯೀ ಸಮೀರಾಕ್ ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ದೊಳೆ ಮೆಳಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಅಡ್ಕಳ್ ಭಗಾನಾತ್ಲಿ.

ರೀಮಾ ತಾಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಗುಂಡಾಯೆಕ್ ರೊಂಬ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ರೀಮಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಟ್ರಂಪ್ ಕಾರ್ಡ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾಸವೆಂ ಆಸ್ತಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ರಾಯನ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾಚೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಬಿಗ್ಡೊಂಕ್ ಸಕ್ಚೊನಾ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವರ್ತುಲಾಂತ್ ಗಾಜಂವ್ಚೆಂ ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಕ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಸಮೀರ್ ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಗಿಳುಂಕ್ ಯಾ ಥುಕುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ ಉಂಡಿ ಜಾವ್ನ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲೊ.

ಅಸಲ್ಯಾ ಪರಿಗತೆಂತ್ ತಾಚ್ಯಾ ಎಕಾಚ್ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಭಯ್ಣಿನ್ ಸಮೀರಾಚ್ಯಾ ಜಿವಾಚ್ಯಾ

ಬಚಾವೆಖಾತಿರ್ ಬೋಬ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲಿ!

ಸಂದಿಗ್ದ್ ಪರಿಗತೆಂತ್ ತೊ ಶಿರ್‍ಕಾಲ್ಲೊ!!

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್ ತುರ್‍ತಾನ್ ವೆಚ್ಯಾ ತಯಾರಾಯೆರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಬರೆಂ ತರ್ ರಾಯನ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆಮಿಂ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ವಿಭಾಡ್ನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಫಾಯ್ದೊ ನಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಎಮರ್‌ಜೆನ್ಸಿಂತ್ ಏಕ್ ಪೇಶಂಟ್ ಆಸಾ. ರಸ್ತ್ಯಾ ಆವ್ಫಡಾಚಿ ಕೇಜ್. ಹಾಂವೆಂ ಘಳಾಯ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ವೇಳ್ ಭೋವ್ ಮೊಲಾಧಿಕ್" ಮ್ಹಣಾತ್ ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್ ಬಾಗ್ಲಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಸರಾರಾಂ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

"ಪೇಶಂಟಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಸಮೀರ್‌ಗಿ? ಥೊಡ್ಯಾ ಸೆಕುಂದಾಚೆಂ ಮೌನ್!

"ಪ್ರಾಯ್ 29 ವರ್ಸಾಂ?" ಏಕ್ ಲಾಂಬ್ ಶ್ವಾಸ್!

"ಮೋಟರ್ ಬಾಯ್ಕ್ ಆವ್ಫಡ್ ಆನಿ ಕೋಮಾಂತ್!?"

ರಾಯನಾಚಿಂ ತೀನ್ ಸವಾಲಾಂ ಆಯ್ಕೊನ್ ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾಕ್ ವಿಜ್ಮಿತ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ಬರಾಬರ್ ಆತುರಯ್ ವಾಡ್ಲಿ.

"ಹುಂ" ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಬರಿಂ ದಾಕ್ತೆರಾಂನಿ ತಕ್ಲಿ ಹಾಲಯ್ತಾನಾ, ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಕಪಲಾಥಾವ್ನ್ ದೆಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ಬಾರೀಕ್ ಘಾಮಾರ್ಝುರ್ ದಾಕ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಗುಮಾನಾಕ್ ಯೇನಾಸ್ತಾಂ ರಾವ್ಲಿನಾಂ.

"ಕಿತ್ಲೊ ಘಡೀಸ್ ಆಸಾ? ಜಿವಾಕ್ ಕಸಲೊಯ್ ಬಾದಕ್?" ರಾಯನಾಚೊ ತಾಳೊ ಗದ್ಗದೀತ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

"ರಾಯನ್. ಮೆಂದ್ವಾಕ್ ಮಾರ್ *(Bran injury and internal bleeding)* ಆನಿ ಆಂತರಿಕ್ ರಗ್ತಾಸ್ರಾವ್. ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಭೋವ್ ಮಾರೆಕಾರ್. ರಗ್ತಾಸ್ರಾವ್ ಆಪ್ಲೆಸ್ತಕಿಂ ರಾವ್ಲ್ಯಾರ್ ಬರೆಂ ಆಸಾ. ಪುಣ್ ಹೆಂ ಗೆಟೆ ಜಾಲ್ಲೆಂ ರಗತ್ ಮೆಂದ್ವಾಚ್ಯಾ ಶಿರಾಂಕ್ ಲುಕ್ಸಾಣ್ ಕರ್‍ತಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್, ಹೊ ವೆಕ್ತಿ ಕೊಮಾಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೇನಾಸ್ತಾಂ ಆಸ್ಚೊ ಸಂಭವ್ ಆಸಾ. ಕಿತ್ಲೆ ದೀಸ್, ಹಫ್ತೆ ಯಾ ಮಯ್ನೆ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಜಾಯ್ಶೆಂನಾ. ಆನಿ ಎಕಾವೆಳಾರ್ ಕೋಮಾಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್‌ಯ್ ಖಂಚೆ ತರೀ ಊಣ್ ಖಂಡಿತ್ ಆಸ್ತಲೆ"

"ಊಣ್..? *Disability!?* ರಾಯನಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಕಾತರ್ನ್ ದಾಕ್ತೆರಾನ್ ಮುಖಾರಿಲೆಂ.

"ಶೆಳಿಪಿಡಾ *Paralysis),* ಮತಿಚಿ ಅಸ್ಕತ್ಕಾಯ್, ಅಸೆಂ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ಸಬಾರ್ ಆಸಾತ್"

"ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್, ಸಮೀರ್ ಮ್ಹಜೊ ಖಾಸ್ ಮನಿಸ್. ಹಾಂವ್ ತಾಚೊ ಸಾಂಭಾಳ್ನಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ತುವೆಂ ಚಿಂತ್ಯೆತ್, ತಾಚಿ ಚಿಕಿತ್ಸಾ ಮ್ಹಜಿ ಉಂಚ್ಲಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ" ರಯನಾನ್ ಹಾತ್ ಉದಾರೆ ಕೆಲೆ.

"ತಶೆಂ ತರ್ ಒಪರೇಶನಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂವಿಶಿಂ ಫಿಕಿರ್ ಕರ್ಚಿ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್ಚಿ ನಾ"

ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಸಬಾರ್ ಪಿಂತುರಾಂ ದಾಂವೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ.

ರೀಮಾಸಂಗಿಂ ಏಕ್ ಅಸಹಾಯಕ್ ಮಾಂದ್ರೆಕ್ ಶೆವ್ಟಾಲ್ಲೊ ತರ್‍ನಾಟೊ.

ಅಸಹಾಯಕ್! ನಿಸ್ತೇಜ್ ವೆಜಿಟೇಬಲ್!!

ರಾಯನ್ ಹಾಕಾ ತಯಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ!!!

“ಒಪರೇಶನ್?” ರಯನ್ ಘುಸ್ಪಡ್ಲ್ಲೆಂ ಜಾಳ್ ಸೊಡಯ್ತಾಲೊ.

“ಪಿಡೆಸ್ತಾನ್ ವಾಂಚೊನ್ ಉರ್ಚ್ಯೊ ಆವ್ಕಾಸ್ ಉಣೊ. ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಥರಾನ್ ಪಾಟಿಂ ಪರ್ತುಂಚಿ ಸಾಧ್ಯತಾ ಆಸಾ. ಅಸಲೆ ಪಿಡೇಸ್ತ್ ಚಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಒಪರೇಶನ್ ಥಿಯೆಟರಾಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೇನಾಂತ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್, ಪಿಡೆಸ್ತಾಂಚ್ಯಾ ವಾರೆಸ್ದಾರಾಂಕ್ ಚಡಿತ್ ರಿಸ್ಕ್. ಪುಣ್ ದಾಕ್ತೆರಾಂಚಿ ರಿಸ್ಕ್ ಉಣೆಂ” ದಾಕ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣ್ ಉಣೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ ತರ್ಯೀ ರಾಜಾಂವ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ರೀಮಾ ಆನಿ ಸಮೀರ್!!

ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಸ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ದಿಸಾನಾತ್ಲ್ಲೆಂ!!

“ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ಪಿಡೆಸ್ತಾನ್ ಒಪರೇಶನ್ ಥಿಯೆಟರಾಥಾವ್ನ್ ಜಿವಂತ್ ಪರ್ತೊಂಕ್ ನ್ಹಜೊ. ಟೇಬಲಾರ್‌ಚ್.. ತುಜೆಂ ಘಾವೊತೆಂ ಮೋಲ್ ಹಾಂವ್ ಫಾರಿಕ್ ಕರ್ತಲೊಂ.” ರಾಯನಾನ್ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲ್ಲೊ.

ಸಿದ್ಧಾಂತ್! ಸಿದ್ಧಾಂತ್!!

“ದೆವಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೊ ಜಾಗೊ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿತಾತ್. ಆಮಿ ಜೀವ್ ವಾಂಚಾಂವ್ಕ್ ದಾಕ್ತೆರ್ ಜಾತಾಂವ್. ಸನದ್ ಜೊಡ್ಲ್ಲೆ ವೆಳಾರ್ ಆಮಿ ಸಪೊತ್ ಘೆತಾಂವ್. ನಿಶ್ಕಪಟ್‌ಪಣಾಂತ್ ಆಮಿ ಪಿಡೆಸ್ತಾಂಚಿ ಸವಾ ಕರ್ಚಿಪಾಸತ್. ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಅಜೂನ್ ದಾಕ್ತೆರಾಂಕ್ ಉಂಚ್ಲೊ ಮಾನ್ ಆಸಾ. ಹಜಾರ್ ಹಜಾರ್ ಜೀವ್ ಮರ್ಣಾಚ್ಯಾ ದಾಂವ್ಳೆಂ ಥಾವ್ನ್ ಚೋರ್ನ್ ಆಮಿ ಪಾಟಿಂ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾತ್. ತುಂ ಕಿತೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಸಾಯ್ಗಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತಾಯ್?” ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾಚೊ ಆವಾಜ್ ಚಡೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ಗುಮಾನಾಕ್ ಆಯ್ಲೊ.

“ಸೊಲ್ಲೊ! ಸೊಲ್ಲೊ!! ತುಜ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ಆಸ್ಪತ್ರೆಚ್ಯಾ ಬಾಂದ್ಪಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ಹಾಂವ್ ಹಾತಿಂ ಘೆತಲೊಂ, ಆನಿ ತುವೆಂ ಘಾಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ ಶರ್ತಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ವೊಪ್ತಾಂ”

ಡೊಕ್ಟರ್ ನರೇಶಾನ್ ರಾಯನಾಚೊ ಹಾತ್ ಹಾಲಯ್ಲೊ.

ರಾಯನಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಮಂದ್ ಹಾಸೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

*** – ***

(ಪಯ್ಲ್ಲಾರಿ, 2018)

ಪ್ರೊಫೆಸಿ

ಸಾಂಜೆಚಿ ವೊರಾಂ ಚಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ತೀನ್ ಮಿನುಟಾಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ನವೀನಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮೊಟಾರ್ ಬೈಕಾಚೆಂ ಸ್ಟ್ಯಾಂಡ್ ವೊಡ್ನ್ ಚಾವಿ ಬೊಟಾಂ ಮಧೆಂ ಖೆಳಾಯಿತ್ತ್ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂದ್ಪಾಚೆರ್ ನದರ್ ಮಾರ್ಲಿ. 'ಶಾಂತಿ ವಿಹಾರ್' ಬೋರ್ಡಿಂಗ್ ಆ್ಯಂಡ್ ಲಾಡ್ಜಿಂಗ್!

ತೊ ಪರ್ನೊ ತಗಡಾಚೊ ಬೋರ್ಡ್ ಅಜೂನ್ ಬದ್ಲೊಂಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ. ನಾರಾಯಣ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಚಾರ್ ವೊರಾರ್ ತಾಕಾ ಭೆಟೆಚೊ ವೇಳ್ ದಿಲ್ಲೊ. ನವೀನ್ ಚೌಧುರಿ!!

ಆಸ್‌ಪಾಸ್‌ಚ್ಯಾ ಗಾವಾಂತ್ ಪರಿಚಿತ್ ನಾಂವ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಭೂವ್ಯವಹಾರಾಂತ್ ತಾಣೆ ಆಪ್ಲಿಚ್ ಪ್ರಗತಿ ಕೆಲ್ಲಿ. ಹಂತಾ ಹಂತಾನಿಂ ತಾಣೆ ಜಯ್ತಚಿ ಶಿಡಿ ಚಡ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾ ವರ್ಸಾನಿಂ ಸಬಾರಾಂಕ್ ವಸ್ತಿ ಜಾಗೆ ಯಾ ಘರಾಂ ಘೆಂವ್ಕ್ ತಾಣೆ ಕಾರಣ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ಸಬಾರಾಂಚಿ ಆಸ್ತ್ ಘಾವೊತ್ಯಾ ಮೊಲಾಕ್ ವಿಕುಂಕ್‌ಯಿ ತಾಚೊ ಹಾತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಪೇಪರಾನಿಂ ತಾಕಾ ಇಸ್ತಿಹಾರಾಂ ಘಾಲಂವ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ.

ಪಾತ್ಯೆಣೆಚೊ ತರ್ನಾಟೊ ಮ್ಹುಣ್ ತಾಕಾ ಸಬಾರಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಹೊಗ್ಳಿಕ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲಿ. ಸುರ್ವಿಲ್ಯಾ ದಿಸಾನಿಂ ಏಕ್ 'ಏಜೆಂಟ್' ಯಾ 'ದಲಾಲಿ' ಥಾವ್ನ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಪಯ್ಣ್ ರಿಯಲ್ ಎಸ್ಟೇಟ್ ಬಿಸ್‌ನೆಸ್ ಮ್ಯಾನ್ ಜಾವ್ನ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲೆಂ. ಘರಾಂ ಬಾಂಧುನ್ ದಿಂವ್ಚಿಂ ಕೊಂಟ್ರೆಕ್ಟ್ ತೊ ಘೆತಾಲೊ.

ನವೀನಾನ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಜಳವ್ನ್ 'ಶಾಂತಿ ವಿಹಾರ್'ಚ್ಯಾ ಶಿಡಿಯೆಚಿಂ ಮೆಟಾಂ ಚಡಾಲಾಗ್ಲೊ. ಮೆಟಾಂ ಧುಳಿಂತ್ ಬುಡೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿಂ. ಥಂಯ್ ಥಂಯ್ ಶಿಂಪ್ಡಾಲ್ಲೊ ಕಾಗ್ದಾಚೊ ಕಚ್ರೊ ಆನಿ ಪಾನ್ ಬಿಡಾ ಖಾವ್ನ್ ಥುಕುನ್ ಘಾಲ್ಲ್ಯೊ ವಣದಿ ಪಳೆತಾನಾ ಚಾಳಿಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಪರ್ನ್ಯಾ ಬಾಂದ್ಪಾಚಿ ಚರಿತ್ರಾ ಪಾಚಾರ್ತಲಿ.

'ನಾರಾಯಣ್ ಶಾಸ್ತ್ರೀ!!'

ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ಅಕ್ಷರಾನಿಂ ತಗಡಾಚ್ಯಾ ಬೊರ್ಡಾರ್ ಬರವ್ನ್ ವಣದಿಚೆರ್ ಖಿಳಾಯಿಲ್ಲೆಂ. 'ಕೇರಳಾಂತ್ ತರ್ಬೆತ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಜ್ಯೋತಿಷ್ಯ ಶಾಸ್ತ್ರಾಂತ್ ರಾಜ್ಯ ಮಟ್ಟಾರ್ ಪ್ರಖ್ಯಾತ್, ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಸ್ಯಾಂಕ್ ಮೂಳ್ ಪರಿಹಾರ್! ಆಜ್‌ಚ್ ಭೆಟ್ ದಿಯಾ!

ಬೊರ್ಡಾರ್ ಬರಯಿಲ್ಲೆಂ ವಾಚುನ್ ನವೀನಾನ್ ಸಿಗ್ರೆಟಿಚೆಂ ಮೂಳ್ ವರಾಂಡಾಚ್ಯಾ ವಣದಿಕ್ ಚಿರ್ಡುನ್ ಧರ್ಣಿರ್ ಉಡಯ್ಲೆಂ.

ಬಗ್ಲಾ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ತಾನಾಂ ದುಸ್ರಿಂ ಗ್ರಾಹಕಾಂ ಆಸ್ಚೆಂ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಗಮನಾಕ್ ಗೆಲೆಂ. ಏಕ್ ಸ್ತ್ರೀ ಆನಿ ತಿಚೆ ಸಂಗಿಂ ಸಾತ್ ಯಾ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಚೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಬಸೊನ್ ಸಂಭಾಷಣಾಂತ್ ಮಗ್ನ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಚಸ್ಮಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾನಿಂಚ್ ನವೀನಾಕ್ ಸ್ವಾಗತ್ ಕೆಲೊ ಆನಿ ವರಾಂಡಾಚೆರ್ ದವರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಕಾಚೆರ್ ಬಸೊಂಕ್ ತಾಕಾ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲೊ.

ಸ್ತ್ರೀ ಗಿರಾಯ್ಕಾಚೆಂ ವೆಗಿಂ ಮುಗ್ದೊಂಚಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಗಮನಾಕ್ ವಚಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೆಂ ನಾಂ. ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲ್ಲಾಬರಿಂಚ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಎಕಾ ಥರಾಚಿ ಆತುರಾಯ್ ತಶೆಂಚ್ ಆನ್ಯೆಕಾ ವಾಟೆನ್ ಉದ್ವೇಗ್ ಭರೊನ್ ಯೆತಾಲೆ. ಎಕಾ ಥರಾಚಿ ಕಾವ್ಜೆಣಿ ತಾಚ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಭಗ್ತಾಲಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ರಾತಿಂ ತಾಕಾ ಸಾರ್ಕಿ ನೀದ್ ಪಡೊಂಕ್ ಕಷ್ಟಾತಾಲಿ.

ಹ್ಯಾಚ್ಚ್ ಕಾರಣಾಂ ನಿಮ್ತಿಂ ತಾಕಾ ಆಜ್ ಶಾಸ್ತ್ರೀಚ್ಯಾ ಬಗ್ಲಾರ್ ಉಬೊ ಕೆಲ್ಲೊ ಚಾರ್ ಜಾವ್ನ್ 23 ಮಿನುಟಾಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ....

ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಯ್ನಾತ್ಲ್ಲೊ. ವರಾಂಡಾರ್ ರಾವೊನ್ ನವೀನಾನ್ ಭಂವ್ತಿ ಏಕ್ ನದರ್ ಮಾರ್ಲಿ.

ತೆಂಚ್ ಘರ್ನೆಂ ಬಾಂದಾಪ್! ತೊಚ್ಚ್ ರಸ್ತೊ! ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಆಪ್ಲೊ ಬೋರ್ಡ್ಯ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಫಕತ್ತ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ವಾಹನಾಂ ವಾಡ್ಲ್ಲಿಂ.

ನವೀನಾಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಪಿಂತುರಾಬರಿಂ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಕ್ ಪಾಟಿಂ ಧಾವೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿ ಪಯ್ಲಿ ಭೆಟ್‌ಜಾತಾನಾತೊ ಸಂಪುರ್ಣ್ ನಿರಾಸ್ಪಣಾರ್‌ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಬಿ.ಕಾಮ್. ಶಿಕಾಪ್ ತಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಫಾವೊ ತೆಂ ಕಾಮ್ ತಾಕಾ ಮೆಳೊಂಕ್‌ಂವ್ಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಶಿಕಾಪ್ ಸಂಪವ್ನ್ ವ್ಹಡಾ ಆಶೆನ್ ತೊ ಬೆಂಗ್ಳುರ್ ಗೆಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಬೊಂಬಯ್. ಕಿತ್ಲೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲ್ಯಾರೀ ತಾಕಾ ತಾಚ್ಯಾ ಶಿಕ್ಪಾಕ್ ಪುರ್ತೆಂ ಕಾಮ್ ತಾಕಾ ಮೆಳಾನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಹರ್ಯೆಕ್ ಮೆಟಾ ಮೆಟಾಕ್ ತಾಕಾ ತೊಂದ್ರೆ ಮುಖಾರ್ ಯೆತಾಲೆ. ಕಾಮ್ ಮೆಳೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಸ್ತಾನಾ ಹಾತಾಂತ್ಲೆಂ ಚುಕೊನ್ ವೆತಾಲೆಂ. ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬರ್‍ಯಾ ಕಂಪೆನಿಂತ್ ಭರ್ತಿ ಜಾಂವ್ಕ್ ಆಪವ್ಣೆಂ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತಾಕಾ ಮಲೇರಿಯಾ ತಾಪಾನ್ ಎಕಾ ಮಹಿನ್ಯಾಕ್ ನಿದಾಯಿಲ್ಲೊ. ಅಸಲ್ಯಾ ಘಡಿತಾಂನಿ ತಾಕಾ ನಿರಾಸ್ ಕೆಲ್ಲೊ.

ವಿವಿಧ್ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಜಾಗ್ಯಾಂಕ್ ತಾಣೆಂ ಭೆಟ್ ದಿಲ್ಲಿ. ಸಬಾರ್ ಜಾಗ್ಯಾನಿಂ ತಾಣೆಂ ಆಂಗವ್ಣ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ಪಯ್ಸ್ ಪಯ್ಸ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ತಾಕಾ ಉಜ್ವಾಡ್ ದಿಸ್ಲೊ ನಾಂ. ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ತೊ ಸಾಸ್ಪಾತಾಲೊ.

ಅಸಲ್ಯಾ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಂತ್ ತೊ ಆಸ್ತಾನಾಂ ಎಕಾ ಇಷ್ಟಾನ್ ಶಾಸ್ತ್ರೀ ವಿಶಿಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ಇಷ್ಟಾಚ್ಯಾ ಸಲಹಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಶಾಸ್ತ್ರೀ ಏಕ್ ಆಶಾ ಕಿರ್ಣಾಂ ಬರಿಂ ಭಗೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ.

ನವೀನಾಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಸಮ್ಜಲ್ಯಾ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ತಾಚಿ ಜಲ್ಮ್ ಕುಂಡಲಿ ಹಾಡಯಿಲ್ಲಿ. ಜಲ್ಮಾಲ್ಲೊ ಜಾಗೊ. ವೇಳ್ ಆನಿ ದಿವಸ್ ತಶೆಂಚ್ ಜಾಗೊ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆತ್ಲ್ಯಾ ಶಾಸ್ತ್ರಿಕ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಕುಂಡಲಿಂತ್ ಗಡಡ್ ದಿಸೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ. ಸಾರ್ಕಿ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲಿ ವೇಳ್ ಘಡಿ ನಿಘಂಟ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಭೋವ್ ಸೂಕ್ಷ್ಮಯೆನ್ ನವಿ ಜಲ್ಮ್ ಕುಂಡಲಿ ರಚ್‌ಲ್ಲಿ.

"ತುಜಿಂ ನೆಕೆತ್ರಾಂ ಪರಿಶೀಲನ್ ಕರ್ನ್ ಪಳೆಲ್ಯಾ ಲೆಖಾರ್ ತುವೆಂ ಕೊಣಾಚ್ಯಾಯಿ ಹಾತಾ ಸಕಯ್ಲಾ ಕಾಮಾ ಕರ್ಚೆಂ ಯೋಗ ಬರವ್ನ್ ನಾಂ". ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಎಕಾ ಥರಾಚೆಂ ಕರೀಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಭಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ನವೀನಾಕ್ ತಾಚಿ ಪಶ್ನಾರ್ಥಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿ ವಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಲಂವ್ಕ್ ನಾಂ. ದೀರ್ಘ್ ಶ್ವಾಸಾ ಸಂಗಿಂ ಶಾಸ್ತ್ರೀನ್ ಮುಂದರಿಲೆಂ. "ತುಜಾ ಪಂಚಾಗಾ ಪ್ರಕಾರ್ ಧರ್ತೆಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜಾಲ್ಲೆ ಸಂಗ್ತಿನಿಂ ತುಕಾ ಬರೆಪಣ್ ಆಸ್‌ಲೆಂ. ಫ್ಲೆಟಾನಿಂ ವಸ್ತೆ ಬದ್ಲಾಕ್ ಧರ್ಣಿರ್ ಘರ್ ಭುಂಯ್ಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜಾಲ್ಲೊ ವ್ಯವಹಾರ್! ರಿಯಲ್ ಎಸ್ಟೇಟ್ ಇತ್ಯಾದಿನಿಂ ತುಕಾ ಬರೊ ಭವಿಷ್ಯ್ ಆಸಾ. ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್. ಮ್ಹಜೆಂ ಹೆಂ ಉತಾರ್ ಸತ್ ಜಾಯ್ಯಾ ತರ್ ಹಾಂವ್ ಹೆಂ ಜ್ಯೋತಿಷ್ಯ ಶಾಸ್ತ್ರ ಸೊಡ್ತಾಂ. ತಿತ್ಲಿ ಪಾತ್ಯೆಣಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಸಾ ಆನಿ ಹೆಂ ಖರೆಂ ಜಾಲ್ಯಾ ದಿಸಾ ತುಂ

ಫುಜೆ ಸರ್ಶಿಂ ಯೆತಲೊಯ್ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಪ್ರೊಫೆಸಿಚೆಂ ಫಾವೊತೆಂಫಾರಿಕ್ ಕರ್ತಲೊಯ್. ತವಳ್ ಸರ್ಪಾಂತ್ ಪಾಂವ್ ತುಜೆ ಫಾವ್ಸ್ ಕಿತೆಂಚ್ 'ಫೀಸ್' ಅಪೇಕ್ಷುಂಚೊ ನಾಂ". ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಆನಿ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಾನಿಂ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಖರಿಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಸುರ್ವಿಲೆ ದೀಸ್ ತಿತ್ಲೆ ಸಲಿಸಾಯೆಚೆ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ತರೀ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ಆದೇಶಾ ಪರ್ಮಾಣೆ ನವೀನಾನ್ ಭೂ ವ್ಯವಹಾರಾಂತ್ ಪಾಂಯ್ ದವರ್‌ಲ್ಲೆ.

ರಿಯಲ್ ಎಸ್ಟೇಟಾಂತ್ ಜಾಯ್ತಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಲೊ ವೇಳ್ ತೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ನವೀನ್ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಕ್ ದೆಂವ್‌ಲ್ಲೊ. ಅಶೆಂ 'ಬ್ರೋಕರ್' ಮ್ಹಣ್ ಬುನ್ಯಾದ್ ಗಾಲ್ಲಿ ತರೀ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವರ್ಸಾನಿಂ 'ರಿಯಲ್ಟರ್' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಮಾನಾಕ್ ಫಾವೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ವ್ಯಾವಹಾರಿಕ್ ಚಿಂತ್ಪಾಂತ್ ದೆಣೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತಾಚೊ ಭರ್ಪೂರ್ ಫಾಯ್ದೊ ಉಟಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೊ ನಾ.

ಶಹರಾಂನಿ ತಾಚೆ ನಾಂವಿಂ ಜಾಗೆ ಆನಿ ಆಸ್ತ್ ಉದೆಂವ್ಕ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲೆಂ. ಅಯಿಲ್ಲೊ ಮುನಾಫೊ ತಾಣೆಂ ಆಡಂಬರಾನಿಂ ಖರ್ಚಿನಾಸ್ತಾನಾ ಫಾವೊತ್ಯಾ ರಿತಿರ್ ವಿನಿಯೋಗ್ ಕೆಲೊ.

ಜಿಣ್ಯೆಚೆಂ ಸಮತೋಲನ್ ಚುಕಯ್ನಾಸ್ತಾಂ ತೊ ಮುಖಾರ್ ಸರ್ಲೊ. ಯುವ ಉದ್ಯಮಿ ತೊ ಜಾಲ್ಲೊ!!

ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಸತ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ ಆನಿ ಭಸಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಫಾವೊ ತೆಂ ಇನಾಮಾ ದೀಂವ್ಕ್ ತೊ ವಿಸಾರ್ಲೊ ನಾಂ.

ಎಕಾಮೆಕಾ ಥಂಯ್ ಭಾಂದ್‌ಸೊ ರುತಾ ಜಾಲ್ಲೊ. ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ವ್ಯವಹಾರಿ ಸಂಬಂಧ್‌ಯಿ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ಗಿರಾಯ್ಕಿ ಪಯ್ಕಿ ಕೊಣಾಕ್‌ಯಿ ಘರ್ ಜಾಗ್ಯಾಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಗರ್ಜಾಂಕ್ ತೊ ನವೀನಾ ತೆಕ್ಶಿಂ ಧಾಡ್ತಾಲೊ. ತರ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಗಿರಾಯ್ಕಾಂಕ್ ವಾಸ್ತುವಿಶಿಂ ಯಾ ನಾನಾ ಥರಾಂಚ್ಯಾ ದೋಷ ಯಾ ತಾಕಾ ಪರಿಹಾರಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಬಡಂವ್ಕ್ ಮಾಹೆತ್ ದಿತಾಲೊ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿ ಆನಿ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚೆಂ ಸಂಭಾಷಣ್ ಅಜೂನ್ ಮುಗ್ದೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ನವೀನಾನ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಜಳವ್ನ್ ಏಕ್ ಭಳಾಧಿಕ್ ದಮ್ಮ್ ಮಾರ್ಲೊ.

ಮತಿ ಪಡ್ದ್ಯಾರ್ ಆದ್ಲಿಂ ಘಡಿತಾಂ ಜಿವಾಳ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲಿಂ.... ತೀನ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದ್ಲಿ ಗಜಾಲ್ ತಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿ...

ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿ ಚತ್ರಾಯೆಚೆಂ ಗಣ್ಣೆಂ ಕರಿನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತೊ ಘರಾಂ ಜಾಲ್ಲೊ. ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಘರಾಂ ಜಾಂವ್ಕ್‌ಯೀ ಕಾರಣ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತಾಚೆಂ ಉತಾರ್ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲೊಂ. ತರ್ ಸರ್ವ್ ಸಂಕಷ್ಟಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಚಾವ್ ಜಾತಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ". ನವೀನಾಕ್ ಆಪ್ಲೆಸ್ತಕಿಂ ಚುರ್ಚುರೆ ಭೊಗ್ಲೆ.

ಪಯ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಅಡ್ಚಣಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಮಾನೆಸ್ತಾನ್ ಮಾಸ್ಳೆ ಮಾರ್ಕೆಟಿಲಾಗಿಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಪ್ಲೆಂ ಪರ್ನೆ ಘರ್ ವಿಕುಂಕ್ ನವೀನಾ ಕಡೆನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ. ಪಾಕೆಂ ನಿಸ್ರಾಲ್ಲೆಂ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಕಾಮಾಂಕ್ ಯೇನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ಘರಾಂತ್ ನವೀನಾನ್ ಭರ್ಪೂರ್ ಮುನಾಫ್ಯಾಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ಪಳೆಲೊ. ಮಾಸ್ಳೆಚಿ ಫಾಣ್ ಯೆತಾ ತರೀ ರಸ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮೊಂತಾರ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಘರ್ಚ್ಯಾ ದೋನ್ ಕುಶಿನ್ ರಸ್ತೊ ಮೆಳ್ತಾಲೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಕಾಂಪ್ಲೆಕ್ಸ್ ಬಾಂಧುಂಕ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ

ಚುರುಕ್ ಮತಿಕ್ ಸುಸ್ತಾಲ್ಲೆಂ. ಜಾಗ್ಯಾಚಿಂ ದಸ್ತಾವೇಜಾಂ ಸಾರ್ಕಿಂ ನಾತ್ಲ್ಲಿಂ ತರೀ ಪಕ್ಷಾಂಚ್ಯಾ ಆನಿ ಪಯ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಬಳಾನ್ ಸಾರ್ಕಿಂ ಕರವ್ನ್ ಕಾಂಪ್ಲೆಕ್ಸಾಕ್ ಬುನ್ಯಾದ್ ಗಾಲ್ಲಿ. ಖಬಾರ್ ಕಳ್ಳ್ಯಾ ಶಾಸ್ತ್ರೀನ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ 'ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟಾ'ಚೆರ್ ಚತ್ರಾಯ್ ಜಾಗಾಯ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾಂತ್ 'ಬರ್ಕಾತ್ ನಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಶೀದಾ ಉತ್ತ್ರಾನಿಂ ಜಾಗಾಯಿಲ್ಲೆಂ.

ಪುಣ್ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ನವೀನ್ ಮುಖಾರ್ ಪಾವೊನ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಮ್ಹಜೆ ಕಡೆನ್ ವಿಚಾರ್ಲ್ಲೆಂಯ್ ತರ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಮುಖಾರ್ ಸರೊಂಕ್ ಸೊಡ್ತೊನಾಂ. ಇತ್ಲೊ ಜಾಣ್ಟಾಯೆಚೊ ಉದ್ಯಮಿ ಜಾವ್ನ್ ಜಾಗ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಖಬಾರ್ ಕಾಡಿನಾಸ್ತಾನಾ ಮುಕಾರ್ ಸರ್ಲ್ಲೆಂ ಪಳೆತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೋವ್ ಅಜ್ಯಾಪ್ ಭೊಗ್ತಾ" ಮ್ಹಣ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಶಿಣ್ ಉಚಾರ್ಲ್ಲೊ. ನವೀನ್ ಆತಾಂ ಖಾತ್ರಿಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲೊ!!

ಜಾಲ್ಯಾ ತಿತ್ಲ್ಯಾ ವೆಗ್ಗಿಂ ಬಾಂಧಾಪ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ. ಅಂಗ್ಡಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ನ್ ಆಂಗಾರ್ ಪಡೊನ್ ಲೋಕ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ತಯಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ವೆಗಿಂಚ್ ವಿಕುನ್ ಆಪ್ಲೆ ಹಾತ್ ಧುಂವ್ಚೆಂ" ಮ್ಹಣ್ ನವೀನಾನ್ ಲೆಖಾಚಾರ್ ಘಾಲ್ಲೊ.

ಆಯಿನ್ಸ್ನ್ ವೆಳಾರ್...

ಬಾಂದ್ಪಾ ಕಾಮ್ ಚಲ್ತಾನಾ, ಕುಶಿಚೆಂ ಬಾಂದಾಪ್ ಕೊಸ್ಳೊನ್ ಪಡ್ಲ್ಲೆಂ. ಏಕ್ ಕಾಮೆಲಿ ಪಂದಾ ಪಡೊನ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಚ್ಯಾ ವಾಟೆರ್ ಮರಣ್ ಪಾವ್ಲ್ಲೊ. ಹಾಂಗಾಸರ್ ನವೀನಾಚೆಂ ಲೇಖ್ ವಯ್ರ್ ಸಕಯ್ಲ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಕಾಮೆಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾ ವರ್ವಿಂ ವ್ಹಡ್ ಮಾರ್ ಪಡ್ಲ್ಲೊ!!

ಏಕಾ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಪೊಲಿಸ್ ಸ್ಟೇಶನ್ ಆನಿ ಕೋರ್ಟಾಚ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲ್ಯಾರ್ ಖರ್ಚುಂಕ್ ಪಡ್ಲೆಂ.

ದಿಸಾಳ್ಯಾ ಪೇಪರಾನಿಂ ತಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಉದೆವ್ನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಸುರು ಜಾಲೆಂ. ಸ್ಥಳೀಯ್ ಟಿ.ವಿ. ಚಾನೆಲಾಂನಿ ಬೆಪಾರ್ವಾ ವಿಶಿಂ ಸರಾಗ್ ನಿಂದಾ ಕೆಲಿ. ಜಿಲ್ಲಾಡಳಿತಾಂತ್ ಕಾಮೆಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ *Safety* ಆನಿ ಪರಿಹಾರಾ ವಿಶಿಂ ಚರ್ಚಾ ಜಾಲಿ.

ಅನಾವಶ್ಯಕ್ ಅವ್ಮಾರ್ಯಾದ್ ಜಾಲಿ. ಉದ್ಯಾ ಬರಿಂ ದುಡು ಖರ್ಚುಂಕ್ ಪಡ್ಲೊ. ಕೋರ್ಟಾಂತ್ ಕೇಸ್ ಉಬಿ ಜಾಲಿ.

ಪನ್ವತಿ ಪಡ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲೊ ರಂಗ್ ದಾಖಯಿಲ್ಲೊ. ಅಪಶಕುನಾಂ ಥಾವ್ನ್ ನಿಸ್ತಾಂವ್ಕ್ ಚಿಂತ್ಲ್ಲೆ ಹಾತ್ ಆತಾಂ ಮೊಡ್ಲ್ಲೆ. ಅಖೇರ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಘಾವ್ಲೊ ತೊ ಪರಿಹಾರ್ ಸೊಧ್ತಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ತಾಕಾ ಬಚಾವಿ ನಾತ್ಲ್ಲಿ!!

"ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿ ಥಾವ್ನ್ ಸಲಹಾ ಘೆತ್ಲ್ಲಿ ತರ್ ಹಿ ಗತ್ ಯೆತಾನಾ ಮುಖಾರ್ ಅಸಲಿ ಚೂಕ್ ಕರ್ಚೊ ನಾಂ" ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆಂ ಖರೊ ನಿಚೆವ್ ಮತಿಂತ್ ಧರ್ಲ್ಲೊ. ಬರೆಂ ಲಿಸಾಂವ್ ಮೆಳ್ಲ್ಲೆಂ!!

ಆತಾಂ ಬರೊ ಕಾಳ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಉದೆವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ!

ಸಂಕಷ್ಟಾಚಿ ಘಡಿ ಪಾಶಾರ್ ಜಾವುನ್ ಜಿಣಿಯೆಚ್ಯಾ ಅನ್ಯೆಕಾ ಮೆಟಾ ಪಾಂಯಾ ದವರ್ಚೊ ವೇಳ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ.

ಕಾಜಾರಿ ಜಿವಿತ್!! ಲಗ್ನಾಚಿ ತಯಾರಾಯ್!!

ಹ್ಯಾಚ್ಕ್ ವಿಶಿಂ ಆಜ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿ ಸಂಗಿಂ ಮಹತ್ವಾಚಿ ಭೆಟ್ ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ಸೂಕ್ತ್ ಚಲಿಯೆಚೊ ಪಂಚಾಂಗ್ ಆನಿ ಫಾವೊ ತಿ ಘಡಿ ಕಾಜಾರಿ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ ಪಾತ್ರ್ ಘೆತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಸಮ್ಜಾಲ್ಲೊ ಉರ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಥರಾಚಿ ಅರ್ಹತಾ ತಾಚೆ ಥಂಯ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿ. ಜಾಯ್ ಪುರ್‍ತೊ ದುಡು. ಆಕರ್ಶಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್, ಶಿಕಾಪ್ ಆನಿ ಹಾತಾಂತ್ ಜಾಯ್ ಪುರ್‍ತೆಂ ಕಾಮ್. ಜಾಯ್ ಪುರ್‍ತೆ ಸೈರಿಕೊ ತಾಕಾ ತಯಾರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆ. ಕಾಜಾರಾ ವಿಶಿಂ ಎಕಾ ಥರಾಚೆಂ ಧೈರ್ಯ್ ಸಹಜ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲೆಂ. ತಾಕಾ ಸಬಾರ್ ಕಾರಣಾಂ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿಂ!!

ತಾಚ್ಯಾ ಎಕಾಚ್ಚ್ ಭಯ್ಣಿಚೆಂ ಲಗ್ನಾ ಜಿವಿತಾಚೆಂ ತಾರುಂ ದರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕಠೋರ್ ಲ್ಹಾರಾಂ ಮಧೆಂ ಶಿರ್ಕೊನ್ ಧಿಕ್ಕ್ ಚುಕೊನ್ ಗೆಲ್ಲೆ ಬರಿಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಘರಾಂತ್ ರಾಗ್, ಝಗ್ಡೆಂ ಆನಿ ಅಸಮಾಧಾನಾಂ ವರ್ವಿಂ ಬರೊನ್ ವಿಚ್ಛೇದನಾಚ್ಯಾ ವಾಟೆರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆಂ.

ಎಕಾ ತಾಚ್ಯಾ ಖಾಸ್ ಇಷ್ಟಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಆನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಧಾಂವೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿ. ಇಷ್ಟ್ ತಾಚೊ ದೆದೆಸ್ಪಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಬೆಬ್ದೆಪಣಾಕ್ ವೆಂಗ್‍ಲ್ಲೊ.

ಸೆಜಾರಾ ಎಕಾ ಘರಾಂತ್ ವರ್ಸಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಜೊಡಿ ಬಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಸುಖಿ ದಿಸ್ತಾಲಿ. ಅಚಾನಾಕ್ ಎಕಾ ದಿಸಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆನ್ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಪಾಕ್ಯಾಕ್ ಕಾಪಾಡ್ ಬಾಂಧುನ್ ಗಳ್ಯಾಸ್ ಘೆತ್‍ಲ್ಲೊ!! ತಾಳ್ ಪಡಾನಾತ್‍ಲ್ಲೆ ಜೊಡಿ? ಎಕಾಮೆಕಾಕ್ ಮೆಳಾನಾತ್‍ಲ್ಲೊ ಜಲ್ಮಾ ಕುಂದಲಿ ಯಾ ಪಂಚಾಂಗಾಂ? ಪಾಡ್ ವೇಳ್ ಘಡಿ?

ನವೀನಾ ಥಂಯ್ ಸವಾಲಾಂಚಿ ರಾಸ್‍ಚ್ಚ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿ!!

ವೊರಾಂ ಸಾಂಜೆಚಿಂ 04:43 ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲಿಂ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿಚಿ ಗಿರಾಯ್ಕಿಣ್ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚೆಂ ಕಾಮ್ ಸಂಪವ್ನ್ ತಿ ಬಗ್ಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ಲಿ. ಆತಾಂ ನವೀನಾಚಿ ಸರ್ತಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲಿ.

"ಯೇ ಬಸ್. ವೇಳ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಮಾಫಿ ಮಾಗ್ತಾಂ" ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ನವೀನಾಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮುಖ್ಲಿ ಬಸ್ಕಾ ದಾಖಯ್ಲಿ.

"ಪರ್ವಾ ನಾಂ ಗುರೂಜಿ. ತುಮ್ಚೆಂ ಆಶೀರ್ವಾದ್ ಆಸ್ತಾ ಪರ್ಯಾಂತ್" ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆಂ ಪಾಂಯ್ ಅಪಡ್ಲೆ. ನವೀನಾಕ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿ ಥಂಯ್ ವಿಶೇಷ್ ರಿತಿಚೊ ಗೌರವ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ.

ಥೊಡೊ ವೇಳ್ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಹಗೂರಾಯೆಚೆಂ ಸಂಭಾಷಣ್ ಚಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂತುನ್ ವ್ಯವಹಾರಾಚೆಂ ಉಲವ್ಣೆಂ ಯೇನಾಸ್ತಾನಾಂ ರಾವ್ಲೆಂ ನಾಂ. ಮಾಸ್ಳೆ ಮಾರ್‍ಕೆಟಿಚಿ ಲಾಗಿಂಚೆಂ ಬಾಂದಾಪ್ ಕೊಸಾಳ್‍ಲ್ಲೆ ವಿಶಿಂ ಆನಿ ಕಾಮೆಲಿ ಮರಣ್ ಪಾವೊನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ನಷ್ಟಾ ವಿಶಿಂ ಉಲ್ಲೇಖ್ ಜಾಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೊ ನಾ. ತಶೆಂಚ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಚೆತಾವ್ಣೆವಿಶಿಂ ಬಡಾಯ್ ಉಲಯ್ನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೊ ನಾಂ. ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿಂ ಚಾರ್ ಜಾತಕಾಂ ಹಾತಾಂತ್ ಘೆತ್ಲಿಂ. ತಶೆಂಚ್ ನವೀನಾಚೊ ಜಾತಕಾ ಅನ್ಯೇಕಾ ಹಾತಾಂತ್ ಘೆವುನ್ ವಿಮರ್ಸೊ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಹಾಚೆ ಮಧೆಂ ಥೊಡ್ಯಾ ಘಡಿಯೆಚೆಂ ಮೌನ್ ವಾತಾವರಣ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಉಬೆಂ ಜಾಲೆಂ.

ಚಸ್ಮಾ ಪಾಟ್ಲೆ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚೆ ದೊಳೆ ಗೂಂಡಾಯೆಂತ್ ಬುಡೊನ್ ಗೆಲ್ಲೆಂ. ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ಕಪಾಲಾರ್ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಿರಿಯಾಂ ಮಧೆಂ ಲಿಪೊನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ. ಮಿಸ್ತರ್ ನವೀನ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್

ಕರ್ತಲೊ.

ತೆಲಾಂತ್ ಭಿಜ್‌ಲ್ಲೆ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚೆ ಕೇಸ್ ನಾಜೂಕಾಯೆನ್ ಪಾಟಿಂ ಉಗಯಿಲ್ಲೆ ಕಾಳ್ಯಾ ಕೆಸಾಂ ಮಧೆಂ ಉಟವ್ನ್ ದಿಸ್ತಾ. ಧವ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಚೆರ್ ನವೀನಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ವಚಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲಿ ನಾಂ. ಜೋತಿಷ್ಯ ಶಾಸ್ತ್ರಾಂತ್ಲೊ ಗೂಂಡ್ ಅನ್ಭೋಗ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವಾಂತ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ.

ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಫೊಟ್ಯಾಂ ಮುಳಿಂ ನಿರಂತರ್ ಜಳೊನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಅಗರ್‌ಬತ್ತಿಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಭೊಂವ್ತಿ ಪಾಸಾರ್‌ಲ್ಲೊ.

ಚಾರ್ ಜಾತಕಾಂ ಪಯ್ಕಿ ದೋನ್ ವಿಂಚುನ್ ಹೆ ದೋನ್ ತುಕಾ ತಾಳ್ ಪಡ್ತಾತ್. ದಸೆಂಬರಾಚಿ ತೆರಾ ತಾರಿಕ್ ಆನಿ ಸಕಾಳಿಂಚಿಂ 11:53 ವೊರಾಂ ಮುಹೂರ್ತಾಕ್ ವೇಳ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ವೇಳ್ ಆನಿಕ್‌ಯಿ ಲಾಗಿಂ ಲಾಗಿಂ ಸ ಮಹಿನೆ ಬಾಕಿ ಆಸಾತ್. ಮಂದ್ ಹಾಸ್ಯಾ ಸಂಗಿಂ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಶ್ವಾಸ್ ಸೆಂವ್ಲೊ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ನವೀನಾಕ್ ಆಪ್ಲೊ ಉಜ್ವೊ ಹಾತ್ ಮುಖಾರ್ ಹಾಡ್ನ್ ತಳಾತ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕರುಂಕ್ ಫರ್ಮಾಯ್ಲೆಂ. ತಳ್ಯಾರ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ರೇಖಾಂಚೆರ್ ಆಪ್ಲೆ ಹಾತ್ ಚರವ್ನ್ "ಭವಿಷ್ಯ ತುಜೆಂ ಉಜ್ವಲ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಲಗ್ನಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಘರಾ ಪ್ರವೇಶ್ ಜಾಂವ್ಚಿ ಚಲಿ ಧನಲಕ್ಷ್ಮೀ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾಲಿ. ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಪಾಂಚ್ ಯಾ ಸ ವರ್ಸಾಂ ಭಿತರ್ ಆತಾಂ ಆಸ್ಚ್ಯಾಕೀ ಪಾಂಚ್ ವಾಟಾನಿಂ ತುಜೊ ಉದ್ದಾರ್ ಜಾತಲೊ. ಉತ್ರಾಂ ಮ್ಹಜಿಂ ಬರವ್ನ್ ದವರ್" ಶಾಸ್ತ್ರೀಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಅಖಂಡ್ ಭರ್ವಸೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ದಾವ್ಯಾ ಹಾತಾಚಿಂ ಬೊಟಾಂ ಮೊಡ್ಲಿಲಿಂ. ಆತಾ ನವೀನಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಹಾತಾಚಿ ಮೂಟ್ ಭಾಂದ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಮುಟಿಚ್ಯಾ ಕೊನ್ಶಾರ್ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ ರೇಖಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಪ್ರೊಫೆಸಿ ಮುಂದರಿಲಿ "ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವರ್ಸಾನಿಂ ತುಂ ದೊಗಾಂ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೊ ಬಾಪ್ ಜಾತಲೊಯ್. ಪಯ್ಲೆಂ ಭುರ್ಗೆಂ ಚೆಡುಂ ಆನಿ ದುಸ್ರೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ತೆಲೆಂ ಚೆರ್ಕೊ ಭುರ್ಗೊ".

ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆತುರಾಯೆಚಿ ಗಜಾಲ್ ಆಸಾ: ಶಾಸ್ತ್ರೀನ್ ಏಕ್ ದೀರ್ಘ್ ಶ್ವಾಸ್ ಸೆಂವ್ಲೊ.

ಏಕ್ ಚಲಿ ತುಜ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಮಿಸ್ತಿರ್ ತಶೆಂ ಯೆತಾಲಿ. ದುಸ್ರೆಂ ಕಾಜಾರ್ ಯಾ ಕಾಜಾರಾ ಭಾಯ್ಲೊ ಸಂಬಂಧ್ ತೆಂ ಖಚಿತ್ ರುಪಾರ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಸಕಾನಾ ತರೀ ಇತ್ಲೆಂ ಹಾಂವ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾಂ ಕೀ ತಿಕಾ ತುಂ ಲಾಂಬ್ ಕಾಳಾ ಥಾವ್ನ್ ವಳ್ಖ್ತಾಯ್. ಬಹುಶಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಪಣಾಚಿ ಸಾಂಗಾತಿಣ್ ಯಾ ಇಸ್ಕೊಲಾಂತ್ ಸಾಂಗಾತಾಂ ಶಿಕ್ತಾನಾಚಿ ವಳಕ್!" ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಮಂದ್ ಹಾಸೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಮತಿ ಪಡ್ದ್ಯಾರ್ ಆಶಾಚೆಂ ಪಿಂತುರ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ. ಕಾಲೆಜಿಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಕ್ಲಾಸ್‌ಮೇಟ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಕಾಜಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಎಕಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಚಿ ಆವಯ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ಸರಾಗ್ *WhatsApp* ಮೆಸೇಜ್ ಧಾಡ್ತಾಲೆಂ. ಥೊಡ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಥೊಡ್ಯಾ ಅರ್ಥಾಚೆ ಜೋಕ್ಸ್!

ಆತಾಂ ಆಮಿ ತುಜ್ಯಾ ಭಲಾಯ್ಕಿ ವಿಶಿಂ ಸಮ್ಜೊವ್ಯಾಂ. ಲಾಂಬ್ ಆವ್ಕ್ ತುಕಾ ಗ್ಯಾರಂಟಿ. ನಾತ್ರಾಂಕ್ ಉಕ್ಯಾರ್ ಖೆಳಂವ್ಚೆಂ ಭಾಗ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್. ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್‌ಚ್ ಫಾವೊ. ಭಲಾಯ್ಕಿ ಭರಿತ್ ಜಿಣಿ ತುಜಿ. 75 ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ 80 ಪರ್ಯಾಂತ್ ಖಂತಿ ವಿಣೆಂ ಜಿಯೆತಾಲೊಯ್ ಆನಿಂ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾಕ್ 75–80 ಪ್ರಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಾಂಯ್ ಲ್ಹಾನ್ ನಹಿಂ" ಮ್ಹಣ್ ಹಳೂ ಶಾಸ್ತ್ರಿ

ತಿಪ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಉಟೊನ್ ಕಾಬಾಟಾ ಸರ್ಶಿಂ ಚಮ್ಕಾಲೊ. ಹೆಂ ತುಕಾ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ತಾವ್ನಾಸಾ. ಸಂಸಾರಾಚ್ಯಾ ನಾಂವಾಡ್ದಿಕ್ ಬರವ್ಪ್ಯಾಂನಿಂ ಆಪ್ಲಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಹ್ಯಾ ಬೂಕಾಂನಿ ಸರ್ಗಟ್ ಕೆಲಾ.

ತೀನ್ ಬೂಕ್ ತಾಣೆಂ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲೆ.

'ನೆಕೆತ್ರಾಂ ಆನಿ ತುಜೆಂ ಭವಿಷ್ಯ್' ದೊನ್ಶಿಂ ರುಪಯಾ ಮೊಲಾಚೊ ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ. ನ್ಯುಮೆರೋಲೊಜಿ-ಏಕ್ ನಿಗೂಡ್ ಸತ್' ಪಾಚ್ವ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ ಬೂಕ್ ಅಡೇಶಿಂ ರುಪಯಾ ಮೊಲಾಚೊ.

'ವಾಸ್ತು ಆನಿ ಶಿಲ್ಪಿ' ಹಳ್ದುವ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ ತಿನ್ಶಿಂ ರುಪಯಾ ಮೊಲಾಚೊ!! 'ಅಪ್ಣಾಕ್ ಹಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ವೆರಿ ಇಂಟರೆಸ್ಟಿಂಗ್' ಮತಿ ಭಿತರ್ ಗುಣ್ಗುಣ್ಲ್ಲೊನವೀನ್ ಆನಿಂ ಎಕಾ ಹಜಾರಾಚೊ ನೋಟ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಗಳಯ್ಲೊ ಚಿಲ್ಲರ್ ಪಾಟಿಂ ಫೆಂವ್ಕ್ ತೊ ರಾವ್ಲೊ ನಾಂ.

ಶಾಸ್ತ್ರಿಕ್ ಚಡಿತ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್ ನವೀನಾಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ತ್ರಾಸ್ ಭಗಾನಾತ್ಲ್ಲೆ. ಶಾಸ್ತ್ರಿಕ್ ವಂದನ್ ಕರ್ನ್ ಖುಶೆನ್ ನವೀನ್ ಶಿಡಿಯೆಚಿಂ ಮೆಟಾಂ ದೆಂವ್ಲೊಂ. ಸಾಂಜೆಚೊ ವೇಳ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಗಡ್ಡಿ ಚಡೊನ್‌ಚ್ಚ್ ಯೆತಾಲಿ. ನವೀನಾ ಥಂಯ್ ಆತಾಂ ಎಕಾ ಥರಾಚೊ ಉಲ್ಲಾಸ್ ಭರ್ಲ್ಲೊ. ಸಿಗ್ರೆಟ್ ವೊಡ್ಚಿ ಆಶಾ ಜಾಗಿ ಜಾತಾನಾ ಆಪ್ಲೊ ಹಾತ್ ಅಪಾಪಿಂ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಗೆಲೊ. ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲಿ ಖಾಲಿ ಪೆಕೆಟ್ ಚಿರ್ಡುನ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಉಡಯ್ಲಿ. ರಸ್ತ್ಯಾಚ್ಯಾ ಅನ್ಯೇಕಾ ಕುಶಿನ್ ಗುಡಾ ಆಂಗ್ಡಿ ತೆವ್ಶಿಂ ತಾಚಿಂ ಮೆಟಾಂ ಚಮ್ಕಾಲಿಂ. ಪಾವ್ಸ್ ಹಳ್ತಾರ್ ಶಣೆತಾಲೊ.

ಧಡ್... ಕ್ರೀಂ.... ಕ್ರೀಂ....

ಇತ್ಲ್ಯಾಚ್ಚ್ ಆವಾಜ್ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಪಡ್ಲ್ಲೊ. ತಿತ್ಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ವೇಗಾನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಎಕ್ಸ್‌ಪ್ರೆಸ್ ಬಸ್ಸಾನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ಚಡವ್ನ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಡ್ರೈವರಾನ್ ಬಳಾನ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬ್ರೇಕಿಚೊ ಅವಾಜ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ತಾಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಆಯ್ತಾಲೆಂ ನಾಂ. ರಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಅಪ್ಟಾಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಶೀತಲ್ ಝುರ್ ದೆಂವೊನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಆಂಗಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಭಿಜವ್ನ್ ಪಾಚಾರ್ತಾ ತಶೆಂ ಅನುಭವ್ ತಾಕಾ ಭಗ್ಲೊ...

ಭಂವ್ತಿ ತಾಚ್ಯಾ ಲೊಕಾಚೊ ಜಮೊ ತಾಚ್ಯಾ ನಿಸ್ತೇಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂ ಮುಕಾರ್ ಅಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾವ್ನ್ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ.

ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಚಾರ್ ಜಲ್ಮ್ ಕುಂಡಲಿ ಉಬೊನ್ ವಚೊನ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ವಾಳ್ಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾ ಮಧೆಂ ಬರ್ಸೊಂಚ್ಯಾ ಬರಿಂ ತಾಕಾ ಭೊಗ್ಲೆಂ.

ಹಾತಾಂತ್ಲೆ ಬೂಕ್ ಚಿಲ್ಲಾ-ಪಿಲ್ಲಿ ಜಾವ್ನ್ ಶಿಂಪ್ಡಾಲ್ಲೆ...

ಅವಾಜ್ ಇತ್ಲೊ ಬಳಾಧಿಕ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊಗೀ ಲಾಗ್ತಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬಿಲ್ಡಿಂಗಾ ಥಾವ್ನ್ ಲೋಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ತಿಳುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ಸೆಕುಂದಾನಿಂ ನವೀನ್ ಸ್ಥಬ್ದ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ನವೀನಾಚೊ ಉಸ್ವಾಸ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ! ಅತ್ಮೊ ಉಬೊನ್ ಗೆಲ್ಲೊ.

ಆವಾಜ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಮಾಳಿಯೆರ್ ಆಸ್ಚ್ಯೊ ನಾರಾಯಣ್ ಶಾಸ್ತ್ರೀ ಉಡೊನ್ ಪಡ್ಲೊ. ಲೊಕಾಂಚೊ ಗುಸು ಗುಸು ಅವಾಜ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಪಡಾನಾಸ್ತಾನಾ ಗೆಲೊ ನಾಂ.

ಲೊಕಾ ಜಮ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಎಕಾ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಚಿ ಕೂಡ್ ರಸ್ತ್ಯಾ ಪಡ್‌ಲ್ಲಿ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ಪಳೆಲೆಂ. ತಶೆಂಚ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಶಿಂಪ್ಡಾಲ್ಲೆ ಏಕ್ ತಾಂಬ್ಡೊ ಏಕ್ ಪಾಚ್ವೊ ಆನಿ ಏಕ್ ಹಳ್ದುವ್ಯಾ ರಂಗಾಚೆ ಬೂಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ದಿಷ್ಟಿಕ್ ಪಡನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೆನಾಂತ್.

ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಖತಾಂನಿಂ ಭರ್ಸಾಲ್ಲೆ ಚಾರ್ ಕಾಗ್ದಾ ಕುಡ್ಕೆ ಶಾಸ್ತ್ರೀಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಕೊಂಕುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ.

ನವೀನಾನ್ ದಿಲ್ಲೊ ಎಕಾ ಹಾಜಾರಾಚೊ ನೋಟ್ ಅಜೂನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಮುಟಿ ಭಿತರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ಅನ್ಯೆಕ್ ತರ್ನಾಟೊ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ.... ತರ್ನಾಟ್ಯಾ ಗಿರಾಯ್ಕಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಪಡೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ನವೀನಾಚ್ಯಾ ನಿರ್ಜೀವ್ ಕೂಡಿ ವಯ್ಲಿ ಆನಿ ಅನಾಥ್ ಜಾವ್ನ್ ಶಿಂಪ್ಡಾಲ್ಲ್ಯಾ ಬುಕಾ ವಯ್ರ್ ಖಂಚಾಯಿಲ್ಲಿ ದೀಷ್ಟ್ ಕಾಡ್ಲಿ.

ಮಂದ್ ಹಾಸ್ಯಾನ್ ಶಾಸ್ತ್ರೀನ್ ನವ್ಯಾ ಗಿರಾಯ್ಕಾಕ್ ಸ್ವಾಗತ್ ಕೆಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಎಕಾ ಹಾಜಾರಾಚೊ ನೋಟ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕಂಡ್ರ್ಯಾಂತ್ ದೆಂವಯ್ಲೊ.

*** – ***

(ಪಯ್ಣಾರಿ, 2018)

ನಿಚೆವ್

ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಪಾಂಚ್ ಮಿನುಟಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಟ್ಸ್ಯಾಪ್ ಸಂದೇಶಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್‌ಚ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ರೋಹನಾನ್ ಅಸಹಯಕಾತೆಂತ್ ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲಿ ದೀಷ್ಟ್ ಭಾಯ್ರ್ ಚೊಯ್ಲಿ.

ನಿಶಾ!!

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಎಕ್ಲ್ಯಾಚ್ಚ್ ಧುವೆಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಕುಮ್ಗಾರಾಚೊ ದೀಸ್ ನಮ್ಯಾರುನ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಾಕ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ತರೀ ಎಕಾ ವರ್ಸಾಕ್ ಪಾಟಿಂ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ.

ರೋಹನಾಕ್ ರಜಾ ಮೆಳಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂಚ್ ಏಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಏಕ್ ವರಸ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಗೆಲೆಂ ತರೀ ಕಿತೆಂಚ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ರೋಹನಾಚಿಂ ಸರ್ವ್ ಪ್ರಯತ್ನಾಂ ನಿರ್ಫಳ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಚಿಕ್ಕೆಶೆಂ ಮುಖಾರ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಿಗಾರಾ ಕಡೆನ್ ತಾರೀಕ್ ಮುಕಾರ್ ಲೊಟುನ್ ಫಾಯ್ದೊ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಇಗರ್ಜ್ ಮಾತೆಚ್ಯಾ ಕಾಯ್ದ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರ್ ಚಡಿತ್ ಗಳಾಯ್ ಕರುಂಕ್ ಸಾಧ್ಯ್‌ಚ್ಚ್ ನಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ವಿಗಾರಾಂನಿ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಕರ್ನ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ. ನಿಶಾಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಕುಮ್ಗಾರ್ ಬಾಪಯ್ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಹಾಜ್ರೆಂತ್ ಯಾ ತಾಚೆ ವಿಣೆಂ ಹೆಂ ಏಕ್ ಸವಾಲ್ ಜಾವ್ನ್ ಉರ್ಲೆಂ ತರೀ ವಿಗಾರಾಚ್ಯಾ ನಿರ್ಧಾರಾಂತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಂವ್ಚೊ ಆವ್ಕಾಸ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಎಕಾದಾ ವೆಳಾರ್ ತುಕಾ ಯೇಂವ್ಕ್ ಸಾಧ್ಯ್‌ಚ್ಚ್ ನಾಂ ತರ್ ಆನಿಂ ಹಾಂವೆಂ ತುಜೆವಿಣೆಂ ಪಯ್ಲೊ ಕುಮ್ಗಾರ್ ಸೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯಿಚ್ಚ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕಸಲ್ಯಾಚ್ಚ್ ಸಂಭ್ರಮ್. ಗದ್ದಾಳಾಯೆಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಅರ್ಥ್ ಆಸ್ಚೊನಾಂ. ಕಸಲೆಂಚ್ ಆಚರಣ್ ಕರ್ಚೆಂ ನಾಕಾ. ಕೊಣೆಂಚ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾಂ" ನೆಣ್ತ್ಯಾ ನಿಶಾನ್ ಖಡಕ್ಕ್ ಸಂದೇಶ್ ಧಾಡ್‌ಲ್ಲೊ. ಸಂದೇಶ್ ಕರೀಣ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರೀ ತಾಂತ್ಲಿಂ ಸಿಂತಿಮೆಂತಾ ಭರ್ಪೂರ್ ಝುಳ್ಕಾತಾಲಿಂ.

ನಿಶಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಜಿನೊಸ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ. ಬಹುಶಾ ತಾಣೆಂ ನಿಶಾಕ್ ಆಪ್ಲೆಂ ಅಖ್ರೇಚೆಂ ಹಾತೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ಉಪಯೋಗ್ಲಿಲಾ ತಶೆಂ ರೋಹನಾಕ್ ಭೊಗಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೆಂ ನಾಂ. ಹಾಚೆ ಪಯ್ಲೆಂ ಬಾಯ್ಲೆನ್ ಚಡ್. ಉಣೆಂ ಆಸ್‌ಲೆಚ್ಚ್ ಸಂದೇಶ್ ಧಾಡ್ನ್ ನಿರ್ಫಳ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

"ಕಾರ್ಮಿಕ್ ಯಾ ಕಾಮೆಲಿ ವರ್ಗಾಚೆ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಅಸಲ್ಯಾ ಸಂಧರ್ಭಾನಿಂ ಅವ್ಕಾಸ್ ಕರುನ್ ಹಾಜಾರ್ ಜಾತಾತ್. ಎಂಜಿನಿಯರ್ ಖಂಯ್. ಖಂಚ್ಯಾ ಕಾಸ್ತಾಚೊ ಎಂಜಿನಿಯರ್? ಆಪ್ಲೆಂ ಹಕ್ಕ್ ವಿಚಾರುಂಕ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಧಯ್ರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಅಸಲೊ ಭಿಂವ್ಕುರೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಹಾಂವೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ನಾಂ" ಮ್ಹಣ್ ಬಾಯ್ಲೆನ್ ಫೋನಾರ್ ಶಿಣ್ ಉಲಯಿಲ್ಲೊ.

ಅಶೆಂ ರೋಹನ್ ಅಸಹಾಯಕ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಅಸಲ್ಯಾ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಂತ್ ತಾಕಾ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಕೊಣ್‌ಚ್ಚ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ತೊ ಎಕ್ಸುರೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಬಾಯ್ಲೆನ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಭಿಂಯೆನಾಸ್ತಾನಾ 'ಭಿಂವ್ಕುರೊ' ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಬಿಲ್ಲೊ ತಾಕಾ ಚಿಡ್ಕಾಯಿಲ್ಲೊ.

ದುಬಾಯಾಚ್ಯಾ ಫ್ರೀ ಜೋನ್ *(Free Zone)* ಜಬೆಲ್ ಆಲಿ ಪೋರ್ಟ್ ಭಿತರ್ ಎಕ್ರಾಂ ಗಟ್ಲ್ಯಾನ್ ವಿಸ್ತಾರುನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಮೆರ್ಕ್‌ಡೊರ್ಮೆಟ್ ಕಂಪೆನಿಚ್ಯಾ ದಫ್ತಾರಾಂತ್ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಮಾಳ್ಯೆರ್ ಬಸೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಖಾಂಚಿನಿಂ ದುಃಖಾಂ ದೆಂವೊನ್ ಯೆತಾಲಿಂ.

ಧರ್ಣಿ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಧುಳಿಂತ್ ವರ್ತುಲಾಂ ರಚುನ್ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ಕ್ಷಣಾನಿಂ ಜಿರೊನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಮೋಲ್ ನಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾತಾಲೆ ಗಲ್ಫಾಚೆ ಪಯ್ಶೆ!!

ಹ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂನಿ ಕುಟ್ಮಾ ಜಿವಿತಾಚಿ ಬಲಿ ವಿಚಾರ್‌ಲ್ಲಿ!!

ಘಾಮ್ ಆನಿ ಗಾಂವ್ ಮಿಶ್ರಿತ್ ಮ್ಹೊಂವ್ ತೊ!!

ಹ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂನಿ ವ್ಹಡಾ ಸಾಕ್ರಿಫಿಸಾಚೊ ಸೊಲ್ಲೊ ರಚ್‌ಲ್ಲೊ. ಖಾತ್ರಿಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಕಾರಾಣಾಂ ಖಾತಿರ್ ರವಿ ಚೌಧುರಿ ರಜಾ ದೀಂವ್ಕ ತಯಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ದಯಾ ಭಿರ್ಮತ್ ತೊ ನೆಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ರವಿ ಚೌಧುರಿ!!

Project head ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಕಂಪೆನಿಚ್ಯಾ ಯಾರ್ಡಾಂತ್ ಉಂಚ್ಲೊ ಅಧಿಕಾರಿ ತೊ.

ನಾತಾಲಾಂ ಫೆಸ್ತಾ ವೆಳಾರ್ ರಜಾ ವಿಚಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ತಾಣೆಂ ನಾಕಾರ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪಾಸ್ಕಾಂ ಫೆಸ್ತಾ ವೆಳಾರ್ ವಿಚಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಕಠೀಣ್ ತಾಕಿದ್ ದಿಲ್ಲಿ. ಲಿಖಿತ್ 'ವಾರ್ನಿಂಗ್ ಲೆಟರ್' ದಿತಲೊಂ ಮ್ಹಣ್ ಧಮ್ಕಿ ದಿಲ್ಲಿ. ಹರ್ಯೆಕ್ ದರ್ವಾಟೊ ಬಂಧ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಏಕ್ ಅಖ್ರೇಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್!!!

ನೆಣ್ತ್ಯಾ ನಿಶಾ ಖಾತಿರ್ ಪರಿಣಾಮ್ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಜಾಣಾ ಆಸೊನ್‌ಯಿ ರೋಹನಾನ್ ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಕೆಬಿನಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಭಿಂವ್ನುರಿಂ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ಲಿಂ. ಕೆಬಿನಾಚೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕರುಂಕ್ ಉಬಾರ್‌ಲ್ಲೊ ಹಾತ್ ಅಪ್ಟೆಂಚ್ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಆಯ್ಲೊ.

"ಲೆಖಾ ವರ್ತೆಂ ಖರ್ಚಿತಾಯ್. ಕ್ರೆಡಿಟ್ ಕಾರ್ಡಾಚೆಂ ಬಿಲ್ಲ್ ಕೋಣ್ ತುಜೊ ಬಾಪಾಯ್ ದಿತಾಗೀ?" ಚೌಧುರಿ ಫೊನಾರ್ ಬೊಬಾಡ್ತಾಲೊ. ಕಾರ್ಡ್ ಬೊರ್ಡಾಚ್ಯಾ ವಣದಿ ಭಾಯ್ರ್ ಅವಾಜ್ ಲಿಪೊನ್ ಉರೊಂಕ್ ಸಕ್ಲೊ ನಾಂ. ಫೋನ್ ಸ್ಪೀಕರಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತೆವಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಥಾವ್ನ್ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚೊ ಆವಾಜ್ ಸೊಡ್ನ್ ದೀನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚ್ಯಾಂ ನಾಂವ್ ಕಾಡ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾಂ. ಘಟಂ ಮಾರುನ್ ದೋತ್ ಘೆವ್ನ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾನಾ ತುಜೆ ಕಡೆನ್ ಕಿತೆಂ ಸರ್ವ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತೋಂಡ್ ಸೊಡ್ನ್ ಸಾಂಗ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಗೀ? ಭಾವಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾ ಖಾತಿರ್ ಇಲ್ಲೆಶೆಂ ಶೋಪಿಂಗ್ ಆನಿ ತೀನ್ ಟಿಕೆಟ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ಖರ್ಚಿಲ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಚೆಂ ಲೇಖ್ ವಿಚಾರ್ತಾಯ್‌ಗೀ?

"ಕೊಣಾ ಕಡೆನ್ ವಿಚಾರ್ನ್ ಟಿಕೆಟ್ ಬುಕ್ ಕೆಲಿಯಾ? ತುಕಾ ಕಶೆಂ ಕಳಿತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಯೇಂವ್ಕ್ ಜಾತಾಲೆಂ ಮ್ಹಣೊನ್" ರವಿಚೊ ತಾಳೊ ಮಾತ್ಸೊ ತಗ್ಲಾಲೊ ತರೀ ರಾಗ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ.

"ಅನುಪ್ಕಾರಿ ತುಂ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭಾವಾನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾ ವೆಳಾರ್ ರಜಾ ಗಾಲುನ್ ಎಕಾ ಮಹಿನ್ಯಾಚಿ ಕಠೀಣ್ ವಾಂವ್ಟ್ ಆಜ್ ತುಂ ವಿಸರ್ಲಾಯ್. ತುಜೊ ಸರ್ವ್ ನಾಟಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸಾ" ಮ್ಹಣ್ ಬಳಾನ್ ಫೊನಾಚೊ ರಿಸೀವರ್ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ದವರ್‌ಲ್ಲೊ ಅವಾಜ್ ಜಾಲೊ. ವಿಷಯ್ ಭೊವ್ ಗಂಭೀರ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ರೋಹನಾಕ್ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ಗೆಲೊ ನಾಂ.

ಪುಣ್ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ರೋಹನ್ ದಫ್ತರಾ ಭಿತರ್ ಪಾವೊನ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಅನುಚಿತ್ ವೇಳ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ತಾಕಾ ತಡವ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ಭಿಜುಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಕ್ ಪಾಟಿಂ ಲೊಟುನ್ ಹಿಶಾರ್‍ಯಾ ವಿಣೆಂ ಭಿತರ್ ರಿಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ರೋಹನಾಕ್ ಪ್ರಶ್ನಾರ್ಥಕ್ ದಿಷ್ಟಿನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಬರಿಂ ಚೌಧುರಿಚೆ ದೊಳೆ ತುಲನ್ ಕರ್ತಾಲೆ.

"ಸರ್... ಎಕಾ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ರಜಾ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾರ್..." ಚೌಧುರಿಚೊ ಜಿನೊಸ್ ಪಳೆವ್ನ್ ರಾಹುಲಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಅರ್ಧ್ಯಾರ್‌ಚ್ ರಾವ್ಲಿಂ.

"ರಾವಯಾ" ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿಂ ಹಾತಾಂತ್ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಚಸ್ಮಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚೊ ಕ್ರೋಧ್ ಭುಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಗಾ ಸಮ್ಕಾರ್ ಸಂಪ್ಡಲ್ಲ್ಯಾ ಬೊಕ್ರ್ಯಾಬರಿಂ ರೋಹನಾಕ್ ಭಾಸ್ ಜಾಲೆಂ.

"you will be fired". ಹೆಂ ತುಜೆಂ ಬೇಜವಾಬ್ದಾರೆಚೆಂ ವರ್ತನ್ ಕಾಮ್ ಹೊಗ್ಡಾಯ್ತೆಂ ಕರ್ತೆಲೆಂ. ಜಾಲ್ಲೆ ತಿತ್ಲೆಂ ತುರ್ತಾನ್ ಭಾಯ್ರ್ ನಿಕಾಳ್ ಆನಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ನಿರ್ಧಾರಾಕ್ ರಾಕೊನ್ ರಾವ್. ಬಹುಶಾ ತುಕಾ ಲಾಂಬ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ರಜೆಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ" ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪತಿಣೆ ವಯ್ರ್ ದಾಖಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ರಾಗ್ ತಾಣೆಂ ರೋಹನಾಚೆರ್ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಸೊರ್‍ರಿ... ಸರ್..." ಉಲಂವ್ಕ್ ಅಸ್ವದ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ರೋಹಾನಾಕ್ ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಘರ್ಜೊವ್ಣೆನ್ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಪಾಯಾಂ ಮುಳಾಂತ್ಲಿ ಭುಂಯ್ ಹಾಲಾಯಿಲ್ಲಿ. ಚುಕಿಚೆಂ ಭೊಗ್ಸಾಣೆ ವಿಚಾರುಂಕ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಮೆಳ್ಳೊ ನಾಂ. ದಫ್ತರಾಚೆಂ ದಾರ್ ಉಗಡ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ತಾನಾ ಚೌಧುರಿನ್ ಸೆಕ್ರೆಟರಿಕ್ ಉಲೊ ಮಾರುಂಕ್ ಕಾಂಪಿಣ್ ವಾಜಾಯಿಲ್ಲಿ. ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ರೋಹನಾಚೆ ದೊಳೆ ದುಃಖಾನಿಂ ಭರೊನ್ ಆಯ್ಲೆ. ಎಕಾ ಕ್ಷುಲ್ಲಕ್ ಕಾರಣಾ ಖಾತಿರ್ ಕಾಮ್ ಹೊಗ್ಡಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಥಿತೆರ್ ತೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ರೋಹನಾಚೆರ್ ಘಡ್ಯೆನ್ ಘಡಿ ಚಿಡ್ಚ್ಯಾ ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಘಾಸಾಕ್ ತೊ ಸಾಂಪ್ಡಾಲ್ಲೊ. ಎಕಾ ಮುಗ್ಧ್ ಶೆಳಿಯೆಚ್ಯಾ ಬಲಿದಾನಾಚೊ ವೇಳ್ ಲಾಗಿಂ ಸರ್‌ಲ್ಲೊ. ಕಠಿಣ್ ಮುಖೆಲಿ ಮುಖಾಮುಖಿಂ ಏಕ್ ಸಾದೊ ಕಾಮೆಲಿ! ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಧಾರುಣ್ ವರ್ತನಾಂಕ್ ಕಾರಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಕಾಜಾರಿ ಜಿವಿತಾಚೆಂ ತಾರುಂ ವಾದಾಳಾಂತ್ ಸಂಪ್ಡಾಲ್ಲೆಂ. ವೆಗ್ಳಾಚಾರ್ ದರ್ವಟ್ಯಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ. ಪತಿಣೆಕ್ ಜಾಯ್ತೊ ಸಮ್ಜೊಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ನ್ ತೊ ನಿರಾಶಿ ಜಾಲ್ಲೊ. ಎಕಾಚ್ಚ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ತಾಬೆಂತ್ ಘೆಂವ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್ ಎಕಾಮೆಕಾನಿಂ ಝುಜ್ ಮಾಂಡ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಉಚಾಂಬಳ್ ದರ್ಯಾಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾ ತರ್ವಾಕ್ ತಡಿರ್ ಪಾವಂವ್ಕ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕಾ ಪ್ರಯತ್ನಾಂತ್ ತಾಕಾ ಸಲ್ವಣಿಂ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲಿ.

ಒತ್ತಡಾಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲೊ ತೊ. ಪರಿಣಾಮ್ ಸಂಗಿಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಭೊಗೊಂಕ್ ಪಡ್ತಾಲೆಂ.

ಅಸಲ್ಯಾ ಸನ್ನಿವೇಶಾನಿಂ ಎಕಾ ವರ್ಸಾ ಭಿತರ್ ಜವಾಬ್ದಾರೆಚ್ಯಾ ಹುದ್ದ್ಯಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತೆಗಾನಿಂ ಕಾಮ್ ಹೊಗ್ಡಾಯಿಲ್ಲೆಂ. ಥೊಡ್ಯಾಂಕ್ ನಿಕ್ಳಾಯಿಲ್ಲೆಂ ಆನಿ ಹೆರಾಂಕ್ ಸೊಡ್ನ್ ವಚೊಂಕ್ ಜಾಯ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ವಾಷ್ ಬೆಸಿನಾಚ್ಯಾ ಅರ್ಸ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ಉಬೊ ಜಾವ್ನ್ ರೋಹನಾನ್ ಆಪ್ಲೆಂ ಮುಖಮಳ್ ಚೊಯ್ಲೆಂ.

ರೋಹನ್ ಮತಾಯಸ್!!

ಸಲ್ವಣೆಚೆಂ ಪ್ರತಿರೂಪ್. ತಾಕಾಚ್ಚ್ ಕಾಂಠಳ್ಳೊ ತೊ.

ಕಸಲೆಂ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್ ಹೆಂ!?

ಗಂಭೀರ್ ಮುಖಮಳ್ ಖಡ್ಡಾ ಸಾರ್ಕೆಂ! ನಿಸ್ತೇಜ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ದೊಳೆ.

ತೆಲಾಂತ್ ಬುಡವ್ನ್ ಎಕಾ ದೆಗೆಕ್ ವೊಂದಾವ್ನ್ ಉಗಯಿಲ್ಲೆ ಕೇಸ್! ವೊಂತಾಂ ಮಧೆ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆವುನ್ ತಿಳ್ಳೊ ತೊ ಮುಖ್ಲೊ ದಾಂತ್. ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಎಕಾ ದೆಂಕ್ಣ್ಯಾಕ್ ಉಡೊನ್ ಪಡ್ಲೊ ಶಿರ್ಪುಟೊ ಜೀವ್. ಎಂಜಿನಿಯರ್‌ಪುಣ್‌ಕಾಮ್‌ಕೊಂಟ್ರೆಕ್ಟಾಚೆಂ!!

ಎಕಾಚ್ಚ್ ಉತ್ರಾನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ರೋಹನಾಚೆಂ ಅಸ್ತಿತ್ವ್ ಧರ್ನಿಕ್ ಶೆವ್ಲಾಲ್ಲೆಂ. ಕಸಲೊ ತಪಾವತ್ ಹೊ!?

"Be quick's smart" ಮ್ಹಣೊನ್ ಘುಂಕ್ಯಾಕ್ ಸಲಹಾ ದಿತಾಲೆ. ಕಂಪೆನಿಚೆ ಇಂಜಿನಿಯರ್ ಫಕತ್ತ್ ವ್ಹಡ್ ವ್ಹಡ್ ಬೂಕ್ ಆನಿ ಫಾಯ್ಲಾಂ ಘೆವ್ನ್ ಹೆವ್ನಿನ್ ತೆವ್ನಿನ್ ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ರೋಹನಾ ಪ್ರಾಸ್ ತಿದೊಡೊ ವಾಂಟೊ ಸಾಂಬಾಳ್ ಘೆತಾಲೆ. ಹೆರಾಂಕ್ ಲ್ಹಾನ್ ದಾಖವ್ನ್ ಆಪ್ಲಾಕ್‌ಚ್ಚ್ *'smart'* ಕರ್ನ್ ಘೆತಾಲೆ. ಘಟ್ಟಿರೆಂ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್ ರುತಾ ಕರುನ್ ವೊಡ್ಡಿಕ್ ಆಪ್ಲಾಯಿಲ್ಲೆ. ಚೌಧುರಿ ಮೌನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ತಾಂಚೆ ಥಂಯ್ ಆನಿ.... ಸಮಾಸಮ್ ಶಿಕಾಪ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ರೋಹನ್ 'ಕೊಂಟ್ರೆಕ್ಟ್' ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಬಿಲ್ಲೊ ಘೆವ್ನ್ ದಣ್ಯೊಣೆಂಕ್ ಒಳಗ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಸರ್ವ್ ಕಾಮ್ ತಾಕಾ ಕರುಂಕ್ ಪಡ್ತಾಲೆಂ...

ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ವಾಂಟ್ಯಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಕರುಂಕ್ ಪಡ್ತಾಲೆಂ. ಕಂಪ್ಯೂಟರಾಂತ್ ಬರಿಚ್ಚ್ ಮಾಹೆತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಪಾರ್ಕಿಲ್ಲ್ಯಾಚೌಧುರಿನ್ *'Powerpoint – presentation'* ಪರ್ಯಾಂತ್ ರೋಹನಾ ಕರ್ನಾಂ ಕರವ್ನ್ ಮಿಟಿಂಗಾಂತ್ ಅಪುಣ್ ನಾಂವ್ ಜೊಡ್ತಾಲೊ.

ಕಾಮ್ ಜಾಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಬಾಳ್ ಉಣೆಂ! ಕಸಲೆಂ ವಿಪರ್ಯಾಸ್!? ಘರ್ಯಾ ಬಾಂದ್ಪಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ಕಾಸ್ವಾಚ್ಯಾ ಚಾಲಿಚ್ಯಾ ವೆಗಾನ್ ಚಲ್ತಾಲೆಂ... ಕಾಮ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಕಾಮಾಚೊ ಭರ್ವಸೊ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ರೋಹನಾಚೊಆತ್ಮ ವಿಶ್ವಾಸ್ ಸಂಪುರ್ಣ್ ನಾಸ್‌ಜಾಲಲೊ.

ವೇಳ್ ಸ್ಥಬ್ದ್ ಜಾಲ್ಲೆ ಬರಿಂ ಭಾಸ್ ಜಾತಾಲೆಂ.

ಘಡ್ಯಾಳಾಚ್ಯಾ ಕಾಂಟ್ಯಾಚೊ ಆವಾಜ್ ಏಕ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ದೆಗೆಚ್ಯಾ ಟೀರೂಮಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ *JCE Maker* ಥಾವ್ನ್ ಭರ್ಪಾಚೆ ಕುಡ್ಕೆ ಸಕಯ್ಲ್ ಪಡ್ಚೊ ಆವಾಜ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ನಿರಂತರೀ ಧೊಸ್ತಾಲೊ. ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸುಸ್ತಾನಾಸ್ತಾನಾ ಮೂಟ್ ಭರ್ ಭರ್ಪಾಚೆ ಕುಡ್ಕೆ ತಾಣೆ ಹಾತಾಂತ್ ಆರಾಯ್ಲೆ.

ಚಿಂತ್ಪಾಚಿ ಸಕತ್ ಉಣಿಂ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲಿ.

ಕ್ರಮೇಣ್ ಥಂಡಾಯ್ ಸೊಸ್ಚಿ ಸಕತ್ ಉಣೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ತಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಸೊಸ್ಚಿಕಾಯೆಚಿ ಮೀತ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಆಶೆಲೊ ತೊ. ಆನಿ ಅಶೆಂ ಎಕಾ ಹಂತಾರ್–

ಭರಫ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಕರ್ಗೊನ್ ಉದಾಕ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ

ಹಾತ್ ತಾಚೊ ಭರ್ಪಾಚ್ಯಾ ತಿತ್ಲೊಚ್ಚ್ ಥಂಡ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಹ್ಯಾ ವೆಳಾಂ ದೋನ್ ಸಂಗ್ತಿ ತಾಚ್ಯಾ ಗಮನಾಕ್ ಗೆಲ್ಯೊ.

ಪಯ್ಲೆಂ ಜಾವ್ನ್ ವ್ಹಡಾ ದುಕೆನ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಲ್ಹಾನ್ ಮಟ್ಟಾಚಿ ದುಖಿನ್ ಕಾಂಯ್ ಪರಿಣಾಮ್

ಫಾಲಿ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ದುಸ್ರೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಎಕಾ ಹಂತಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಭರಪ್ ಥಂಡ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. *'Saturation Point!!'* ವೊರಾಂ ಸಾಡೆ ತೀನ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಂ...

ಆಜ್ ಸಾಕಾಳಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಚೌಧುರಿನ್ ಎಕ್‌ಚ್ಚ್ ಎಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ತರೀ ತಾಕಾ ಆಪಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಹರ್ಶೆಂ ಉದಾಕ್ ಪಿಯೆಂವ್ಕ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಪುರ್ಸತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಕಾಮ್ ದೀಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಚೌಧುರಿಚಿ ಕಾಮಾಂ ಥಾವ್ನ್ ನಿಕ್ಳಾಂವ್ಚಿ ಧಮ್ಕಿ ನೀಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ಉರೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಚೌಧುರಿನ್ ಅಪಯ್ಲ್ಲಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸೆಕ್ರೆಟರಿನ್ ಅವಾಜ್ ದಿಲ್ಲೊ....

ಕ್ಯಾಬಿನಾಚೆಂ ದಾರ್ ಕಾಂಪೆರ್ಯಾ ಹಾತಾನಿಂ ಉಗ್ತೆಂ ಕೆಲೆಂ....

"ಸರ್ವ್ ತುವೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಯ್ಕಾತಾಂ ಆನಿ ಕರ್ತಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತಿನಾಕಾ. ಚಾಕೊರ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತುನ್ ಘೆತ್ಲಾಂಯ್ ತುವೆಂ. ಕಿತೆಂ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯಾ ತೆಂ ಕರ್. *'Sick minded'* ಬಳಾನ್ ರಿಸೀವರ್ ಸಕಯ್ಲ್ ದವರ್ಲೆಂ ಚೌಧುರಿನ್.

ರಾಗಾನ್ ತೊ ಕಾಂಪ್ತಾಲೊ. ರೋಹನಾಕ್ ಭಿತರ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಯಾ ಭಾಯ್ರ್ ವೆಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತ್ಚೆಂ ಆದಿಂ ಬಸಂವ್ಕ್ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲೊ ತಾಣೆಂ.

ಕಿತೆಂ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲಾಯ್ ತುವೆಂ? ಚೌಧುರಿನ್ ವೇಳ್ ಪಾಡ್ ಕರುಂಕ್ ನಾಂ. ಮೆಜಾಚ್ಯಾ ಕೊನ್ಯಾಕ್ ಆಸ್ಚೊ 'ಎಮಿರೆಟ್ಸ್ ಏರ್‌ಲೈನ್ಸ್' ಹಾಚೊ ಲಕಾಟೊ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಗಮನಾಕ್ ವಚಾನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲೊನಾ.

ಶಾಶ್ವತ್ ರಜೆರ್ ರಾಂವ್ಚಿ ಅಲೋಚನ್ ಕೆಲ್ಯಾಯ್‌ಗೀ? ಚೌಧರಿಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾನಿಂ ಗಂಭೀರಾಯೆ ಸಂಗಿಂ ವ್ಯಂಗ್ಯತಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

"ವ್ಹಯ್" ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಪರಿಂ ಉಚಾರ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ಕಿತೆಂ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಸಾಂಗ್!? ಚೌಧುರಿನ್ ನಾ ಪಾತ್ಯೆಣಿಂ ಲಿಪಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರುನ್ ನಾಟಕೀಯಾ ರಿತಿರ್ ಕಾನ್ ಮುಖಾರ್ ಹಾಡ್ಲೆ.

ಹಾವೆಂ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲ್ಯಾಕೀ ಹ್ಯಾ ವಗ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಮ್ಹಜೆಂ ರಿಸೈನ್ ಲೆಟರ್ ತುಕಾ ಪಾವಿತ್ ಜಾತಾಲೆಂ. ರೋಹನಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ತಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂಚಿ ಕಾಂಪ್ಣಿ ರಾವ್‌ಲ್ಲಿ. ಉಲವ್ಣ್ಯಾಂತ್ ದೃಢತಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಭೆಂ ಪಯ್ಸ್ ಸರ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಕುಡಿಚ್ಯಾ ಶಿರಾಂನಿಂ ಏಕ್ ವಿಚಿತ್ರ್ ಸಕತ್ ಚರ್‌ಲ್ಲೊ ಅನುಭವ್ ಜಾತಾಲೊ.

ರಗ್ತಾಂತ್ ತಾಚ್ಯಾ ಎಕಾ ಥರಾಚೊ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಭರ್‌ಲ್ಲೊಕೀ ಎದೊಳ್ಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಸಂಸಾರಾಚ್ಯಾ ಖಿಂಚ್ಯಾಚ್ಚ್ ಸ್ಕೊಚ್ ವಿಸ್ಕಿಂತ್ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ತುಜೆಂ ಅಧುರೆಂ ಉಬೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಘರ್? ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿಂ ಗಂಭೀರಾಯ್ ಕರ್ಗೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ರೋಹನಾಕ್ ಭಾಸ್ ಜಾಲೆಂ. "ಹಾವೆಂ ನಿಚೆವ್ ಕರ್ನ್ ಜಾಲಾ". ರೋಹನಾಚೊ ನಿಚೆವ್ ದೃಢ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಥೊಡ್ಯಾ ಘಡಿಯೆಚ್ಯಾ ಮೌನಾಂತ್ ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಕಪಾಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾರೀಕ್ ಘಮಾಚೆ ಥೆಂಬೆ ಘುಟೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ರೋಹನಾಚಿಂ ಗಮನಾಕ್ ವಚಾನಾಸ್ತಾನ ರಾವ್ಲೆಂ ನಾಂ.

"ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಎಕಾ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತುರ್ತು ರಜಾ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕ್ತಾಂ" ಚೌಧುರಿಚೆ ಚಸ್ಮ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲೆ ದೊಳೆ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ಚಡ್ಪಡ್ಚೆಂ ರೋಹನಾನ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆತ್ಲೆಂ.

ಚೌಧುರಿಚ್ಯಾ ಮೊವಾಳಾಯೆಚೊ ಮತ್ಲಬ್ ಜಾಣಾಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ಲಾಗೊಂಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

"ಹಾವೆಂ ಕೆಲ್ಲೊ ನಿಚೆವ್ ಸಾರ್ಕೊ ಮ್ಹಣ್ ಭೊಗ್ತಾ ಮ್ಹಾಕಾ" ರೋಹನ್ ಘಡಿಯೆನ್ ಘಡಿ ಚತುರ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲೊ.

"ತಿತ್ಲೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ತುಕಾ ಚಡಿತ್ ಸಾಂಬಾಳ್ ಮೆಳ್ಚೆ ಬರಿಂ ಕರ್ತಲೊಂ" ಚೌಧುರಿ ಆತಾಂ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ದೆಂವ್‌ಲ್ಲೊ. ತಾಚೆಂ ಅಸಹಾಯಕ್ಪಣ್ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಗಮನಾಕ್ ಗೆಲ್ಲೆಂ.

ಚೌಧುರಿಕ್ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ಥರಾನ್ ತಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ತಾಕಾ ಸಾಂಡುಂಕ್ ನಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಎದೊಳ್ ಚಲೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಭೆಷ್ಟಾವ್ಣಿ ಆನಿ ಘಜೊರ್ಣೆಚೊ ಖೆಳ್ ಸಂಪೊನ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಅವ್ಕಾಸ್ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ದಾರಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಲ್ಹಾನ್ ಮುನಾಫ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸೊಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಒಪ್ಗೊಂಕ್ ನಜೊ ಮ್ಹಣ್ ಸುಸ್ತಾಲ್ಲೆಂ.

ಚೌಧುರಿನ್ 'ಟೀ ಬೊಯಾ'ಕ್ ವಿರಾರಾಯೆನ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿಂ ಉಲೊ ಮಾರ್ಲೊ.

ಕೊಯ್ತೆಚಿ ಮೂಟ್ ಹಾತಕ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ.

ಚೌಧುರಿಚೆಂ ಕಾಂಪೆರ್ಯಾ ವರ್ತನಾಂತ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಚಿತ್ರಣ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲೆಂ.

ರೋಹನಾ ವಿಣೆಂ ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟಾಂತ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಮಾಹೆತಿಗಾರ್ ಕೊಣ್‌ಂಚ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಥೊಡ್ಯಾ ತೆಂಪಾ ಆದಿಂ ಖಾಲಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಇಂಜಿನಿಯರಾಚ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಕೊಣೀ ಯೇಂವ್ಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆ.

ಮಹಿನ್ಯಾ ಆದಿಂ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಭರ್ತಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಕಳಿತ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ರಜಾ ಗಾಲುನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಭಾವಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಚಿ ತಯಾರಾಯೆ ಖಾತಿರ್ ಪತಿಣ್ ಪಾಟಿಕ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲಿ ನಾಂ ತರ್ ಭುಗ್ರ್ಯಾಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಗೆಲ್ಲಿಂ ಪಾಟಿಂ ಯೇನಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಧಮ್ಕಿ ದಿಲ್ಲಿ.

ಮೆಜಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಲಕೊಟ್ಯಾಂತ್ಲೊ ಟಿಕೆಟಿ ಚೌಧುರಿ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚೆ ಮ್ಹಣ್ ರೋಹನ್ ಜಾಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಮ್ಹಜೆಂ *'Final Settlement'* ಕರುಂಕ್ ಕಿತ್ಲೊ ವೇಳ್ ಲಾಗ್ತಾಲೊ" ರೋಹನಾನ್ ಅಖ್ರೇಚೊ ಫಾತರ್ ಉಡಯ್ಲೊ.

ಕಿತ್ಯಾಚೆಂಚ್ ಭ್ಯೆಂ ತಾಕಾ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಹೊಗ್ಡಾಂವ್ಚ್ಯಾ ತಸಲೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

"ಮುರೊ ರಾವಯಾ ಹಾಂಗಾಸರ್" ರೋಹನಾನ್ ಅವ್ಕಾಸಾಚೊ ಚಡಿತ್. ಫಾಯ್ದೊ ಜೊಡ್ಚೊ ಚೌಧುರಿಕ್ ಪಸಂದ್ ಜಾಲೆಂ ನಾಂ.

"ಆಜ್ ಥಾವ್ನ್ ತುಂ ಕೊಂಟ್ರೆಕ್ಟ್ ಕಾಮೆಲಿ ನಹಿಂ. ತುಕಾ ಕಂಪೆನಿಚೊ *Direct* ಉದ್ಯೋಗಿ

ಸಾವ್ನ ನಮ್ಯಾರುಂಕ್ ಶಿಫಾರಸ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಪ್ರೊಜೆಕ್ಟಾಚೊ *'Lead Engineer'* ಹುದ್ದ್ಯಾಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ದಿತಲೊಂ. ಪಯ್ಲೆಂ ಪ್ರಾಸ್ ತಿದೊಡೊ ಸಾಂಬಾಳ್ ತುಕಾ ಮೆಳ್ತಾಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ಹೆರ್ ಸರ್ವ್ ಸವ್ಲಾತಾಯೊ ತುಕಾ ಫಾವೊ ಜಾತಾಲೆ. ಹಾಚೆ ಪ್ರಾಸ್ ಚಡಿತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ವಿಚಾರ್ನಾಕಾ. *'This is the limit'* ಚೌಧುರಿ ಅಧಿಕಾರಾನ್ ಉಲಯ್ಲೊ. "ತಶೆಂಚ್ ತುರ್ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಮಾನ್ ಧಾ ದಿಸಾಂ ಖಾತಿರ್ ರಜೆರ್ ಗೆಲ್ಲೆ ತವಳ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಮ್ ಸಾಂಬಾಳುಂಕ್ ತುಕಾ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ದಿತಲೊಂ".

"ತಶೆಂಚ್ ತುಜೆ ವೈಯಕ್ತಿಕ್ ಸಮಸ್ಯೆ ಮ್ಹಜೆರ್ ತುಂ ಥಾಪ್ಚೊನಾಂಯ್" ರೋಹನಾನ್ ಅಖ್ರೇಚೆಂ ಶರ್ತ್ ದವರ್ನ್ ಜಾಗೊ ಖಾಲಿ ಕೆಲೊ.

ಕೆಬಿನಾ ಭಾಯ್ರ್ ಉಮ್ಕಾಳಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಶಾಂತ್ ಪಳೆತಾನಾ ತಕ್ಲೆವಯ್ಲೆ ಕೇಸ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ಶಾಬಿತಾಯೆನ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆ.

ಮುಖಾರ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ದಾಂತ್ ವೊಂಠಾಂ ಮಧೆಂ ಲಿಪಂವ್ಕ ಚಡಿತ್ ಕಷ್ಟ ಭೊಗ್ಲೆಂ ನಾಂತ್.

"ಫಾಲ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ ದಿಸಾಕ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ 'ಕೊಫಿ' ಹಾಡುಂಕ್ ವಿಸ್ರಾನಾಕಾ" ಹರ್ಶೆಂ ಗಣ್ಣೆಂ ಕರಿನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ 'ಟೀ ಬೊಯ್' ರೋಹನಾನ್ ತಾಕಿದ್ ದಿಲಿ.

ಅಶೆಂ ಸಮಾಪ್ತ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಘುಡೆಂ...

ಚೌಧುರಿಚೆ ಭೆಷ್ಟಾವ್ಣ್ಯಾ ರೋಹನಾ ಥಂಯ್ ಚಡಿತ್ ಭ್ಯೆಂ ಉಬ್ಜಾಂವ್ಕ ಸಕ್ಲೆ ನಾಂತ್. ಖಂಚ್ಯಾ ರಿತಿರ್ ಬರಫ್ ಎಕಾ ಹಂತಾರ್ ಧಂಡಾಯ್ ದೀಂವ್ಕ ಸಕೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ಬರಿ.

'*Saturation Point*' ರುತಾ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಚೌಧುರಿ ಬರಿಂ ಅಸ್ಕತಾಂಕ್ ಧಣ್ಸುಂಚಾ ಮನ್ಶಾಂ....

ಆಯ್ಕಾ ಹಾಂಗಾ....

ಹರ್ಯೆಕಾ ಮನ್ಶಾ ಥಂಯ್ ಸಮಾಸಮ್ ಮಾಪಾನ್ ಆತ್ಮ್‌ವಿಶ್ವಾಸ್ ಆಸಾ. ಕೆದಾಳಾ ತೊ ಜಾಗೊ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ ಕೊಣ್‌ಂಚ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಸಕ್ಚಿನಾಂತ್. ಆಜ್ ಹೊಚ್ಚ್ ಆತ್ಮ ವಿಶ್ವಾಸ್ ರೋಹನಾಕ್ ಜಾಗಾಯಿಲ್ಲೊ....

ಜಾಂವ್ಕ ಪುರೊ...

ಎಕಾ ಉದ್ಕಾಂತ್ ಬುಡ್ಚ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಕಾಡಿಯೆಚ್ಯಾ ಆಧಾರಾ ಮಾರಿಫಾತ್... ಅಂಧ್ಕಾರಾಂತ್ ಚಲ್ತಾನಾ ವಾಟ್ ದಾಖಂವ್ಚ್ಯಾ ದಿವ್ಯಾ ಮಾರಿಫಾತ್...

ಮಾಜ್ರಾಕ್ ಸರ್ವ್ ವಾಟೊ ಬಂಧ್ ಕರುನ್ ಶಿಕಾರಿ ಕರ್ತೆಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಮಾರ್ಚ್ಯಾ ದಾವ್ಲೆ ಮಾರಿಫಾತ್...

ಯಾ ಚೌಧುರಿ ತಸಲ್ಯಾನಿಂ ಧರ್ಣಿಕ್ ಶೆವ್ಟಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್...

ತೊಚ್ಚ್ ಆತ್ಮ ವಿಶ್ವಾಸ್...

ತಾಕಾ ಭೆಸಾಂ ಕರ್ತೆಲ್ಯಾಚೆರ್ ಉಪ್ರಾಟ್ತಲೊ!!

*** – ***

(ಪಯ್ಲಾರಿ, 2018)

ಸಮಾಸಮ್

ಟಾಟಾ ಸುಮೊಚೆಂ ಬಾಗಿಲ್ ಬಳಾನ್ ಬಂಧ್ ಕರುನ್ ಜೊನಿನ್ ಶೀನಾಕ್ ದೆವೊಂಕ್ ಉಲೊ ಮಾರ್ಲೊ. ಹಾತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಕ್ ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂಕ್ ಬದ್ಲುನ್ ಪಾಯಾಂಥಳಾ ಥಾವ್ನ್ ರಗ್ತಾಂತ್ ಭಿಜ್‌ಲ್ಲೆಂ ಪೊತೆಂ ಆರಾವ್ನ್ ಶೀನಾನ್ ಜೊನಿ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಹಳೂ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುನ್ ಸಸ್ಪೊನ್‌ಶೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಬರಿಂ ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ.

ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ಕೊಂಬೊ ಚವ್ತ್ಯಾ ಪಾವ್ಪಿಂ ಜಿಕ್‌ಲ್ಲೊ. ಕೊಂಬ್ಯಾ ಕಾಟಾಂತ್ ಭರ್ಪೂರ್ ಮಾಹೆತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಶೀನಾನ್ ಪೊತ್ಯಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಂ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಅರ್ವಾಯ್ (ಲ್ಹಾನ್ ಬೋಟ್)ಕ್ ಪೊಶೆಲೆಂ. ಅರ್ವಾಯ್ ಲಾಂಬ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಕೊಂಬೊ ಜೂನ್ ಆಸಾ ಆನಿಂ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ಲಾಗ್ತಾಲೊ. ಉಕ್ಡುಂಕ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜೊನಿಕ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿಲ್ಲಿ.

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಚಿ ಜೀಕ್‌ಚ್ ಆಪ್ಲಿ ಜೀಕ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಮ್ಜಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿನ್ ಶೆಂಕ್ರೆಂ ಪೊಶೆವ್ನ್ ಆಪ್ಲೆ ಮಿಶಿಯೊ ವೊಳಾಯ್ಲೊ.

ಮೋವ್ ಮಾತಿಯೆ ಪಂದಾ ಥಾವ್ನ್ ಚೂಪಾಯೆನ್ ಭಾಯ್ರ್ ತಿಳ್ಚ್ಯಾ ಜಲ್ಲಿಂ ಫಾತ್ರಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಚತ್ರಾಯೆನ್ ಚಲ್ತಾನಾ ಉಜ್ವಾಡಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ತಾಂಕಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

"ಹೊ ಏಕ್ ಲಾಯ್ಟ್ ಬಂಧ್ ಕರುನ್ ಖಂಯ್ ಮೆಲಾ" ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಧಾಕ್ಟ್ಯಾ ಭಾವಾಚೆಂ ಘರ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾನಾ ವೊಂಠಾರ್ ಆಪ್ಶೆಂಚ್ ಗಾಳಿ ಉಬ್ಜಾತಾಲ್ಯೊ.

ಜೆರಿ ಜೊನಿಚೊ ರಗ್ತಾ ಸಂಬಂಧಿ ಭಾವ್ ತರೀ ಎಕಾಮೆಕಾಚೆ ಕಠೀಣ್ ದುಸ್ಮಾನ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಆಪ್ಲೆಂ ರಗಾತ್ ಪರ್ಕಿ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಎಕಾಚ್ಚ್ ಬಾಪಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮಾಲ್ಲೆ ಪೂತ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಂಸಾರ್ ಒಪ್ವೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಆಪ್ಲಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾ ಥಾವ್ನ್ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲಾ ಮ್ಹಳೆಂ ಕೊಡು ಸತ್ ಮಾನುನ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಆವಯ್ಕ್ ಮಾನುನ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ಮರ್ಣಾಸರ್ ಕಷ್ಟಾಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ತೆ ದೊಗೀ ಎಕಾಮೆಕಾಚ್ಯಾ ಉದರ್ಗತೆಕ್ ಆಡ್ ಪಾಂಯ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಸೊಧ್ತಾಲೆ.

ಜೊನಿ ಆನಿ ಜೆರಿ ಎಕ್ಲೊ ದುಸ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಅವನತೆಕ್ ಝುಜ್ ಮಾಂಡುನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ.

'ಧಡ್...'

ವಾಟೆ ಮಧೆಂಚ್ ಪಡೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಡಾ ಕಾಟ್ಯಾ ವಯ್ಲ್ ದವರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಏಕ್ ಫಾತರ್ ಆದಳ್‌ಲ್ಲೊ. ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಥಕೊನ್ ಆನಿ ಸೂರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಅಮಾಲಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿಚೆಂ ನಿಯಂತ್ರಣ್ ಚುಕ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಮಜತೆನ್ ಆನಿ ಚುರುಕಾಯೆನ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಪರ್ತೊಂಚ್ಯಾ ಜೊನಿನ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾಕ್ ಧರುನ್ ಆಪ್ಣಾಂಕ್‌ಚ್ ಆಧಾರ್ಲಿಲೊ.

"ಧಳ್ಳಿರ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ ಮಾಡ್ ಖಂಚೊ. ನಾಂ ಜಾವ್ನ್ ತೊ ಮರಾನಾ ಯಾ ತಾಚೊ ವಾರೆಸ್ದಾರ್" ಕಠೀಣ್ ದೂಖ್ ತಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾಲಿ ತರೀ ತಾಚೆ ಮಧೆಂ ಜೆರಿಕ್ ಶಿರಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ತಾಣಂ ಗಳಾಯ್ ಕೆಲಿ ನಾ. ಮೊಬಾಯ್ಲಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾನ್ ಪಳೆತಾನಾ ಉಜ್ವ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಚೆಂ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಬೊಟಾಚಿ ನಾಕ್ಸಿ ಉಟೊನ್ ರಗಾತ್ ವ್ಹಾಳ್ತಾಲೆಂ. ಬೊಲ್ಣಾಂತ್ಲೆಂ ಸೂರ್ಯಾಚೆಂ ಕ್ವಾಟರ್

ಸಗ್ತೆಂ ಕರುನ್ ತುರ್ತಾನ್ ದೋನ್ ಕುಲೆರಾಂ ಭರ್ ಸೊರೊ ತಾಚೆರ್ ವೊತ್ಲೊ ಜೊನಿನ್. ವರ್ನಿಚ್ಯಾ ಮಾತಿಯೆಂತ್ ಜಿರೊನ್ ವೆಚ್ಯಾ ಸೊರ್ಯಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಆಂವ್ಡೆ ಗಳಂವ್ಚ್ಯಾ ಶೀನಾಕ್ ಕೊನಿಚ್ಯಾ ದುಃಖಿ ವರ್ವಿಂ ಚಡಿತ್ ಆಕ್ಲಾಸ್ ಭಗ್ಲೆ.

ಸೊಸುಂಕ್ ತಾಂಕಾ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದುಕಿನ್ ಜೊನಿನ್ ಮಳ್ಬಾಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಲಾಯ್ತಾನಾ ಮಾಡಾಚ್ಯಾ ಕುಬ್ಯಾರ್ ಬಸೊನ್ ಜೆರಿ ಆನಿ ತಾಚೆಸಂಗಿಂ ನಾರ್ಲ್, ಬೊಂಡೆ ತಶೆಂಚ್ ಬೊಂಡಿಯೊ ತಾಕಾ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ತಾತ್ ತಶೆಂ ಭೊಗ್ಲೆಂ.

"ಶಿಕಯ್ತಾಂ ಬೂದ್" ರಾಗಾನ್ ಆಪ್ಲೆತ್ಲ್ಯಾಕ್ ದಾಂತ್ ಕಿರ್ಲಿಲೆ ತಾಣೆಂ. ಶೀನಾನ್ ಕೊಂಬೊ ರಾಂದುನ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಮಾಸಾ ಸಂಗಿಂ ಜಾಯ್ ಪುರ್ತಿ ಸೊರ್ಯಾಚಿ ಬಂದೊಬಸ್ತ್ಯಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ!! ಅಂಗ್ಣಾಂತ್ ಉಬೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿಕ್ ಪನ್ನಾಸ್ ಮಿಟರಾಂ ಭಿತರ್ ಆಸ್ಚೆಂ ಜೆರಿಚೆಂ ಘರ್ ಆನಿ ತಾಚೆಲಾಗಿಂ ಆಸ್ಚೊ ಜೆರಿಚೊ ಮಾಡ್ ಜೊ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವೆಳಾ ಆದಿಂ ದೂಖ್ ದಿಲ್ಲೊ ದಿಷ್ಟಿ ವರ್ತುಲಾ ಭಿತರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ!

ಜೊನಿ ಆನಿ ಜೆರಿ ಮದ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ದುಸ್ಮಾನ್ಕಾಯೆಚೆಂ ಏಕ್ ಮುಖ್ಯ್ ಕಾರಣ್ ಹೊ ಮಾಡ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ವ್ಹಯ್ ಹೊ ಮಾಡ್!

ಭಾರತ್ ಆನಿ ಪಾಕಿಸ್ತಾನಾ ಮಧೆಂ ಕಾಶ್ಮಿರಾ ಖಾತಿರ್ ಚಲ್ಚ್ಯಾ ಝುಗ್ಡ್ಯಾ ಬರಿಂ ಮ್ಹುಣ್ ಸರಿ ಕರ್ಯೆತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಜೊನಿಕ್ ಆಪ್ಲೆಂ ವಾಹನ್ ರಸ್ತ್ಯಾ ದೆಗೆನ್ ರಾವಂವ್ಕ್ ನಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಘರಾ ಮ್ಹುಣಾಸರ್ ರಸ್ತೊ ಕರುಂಕ್ ತಾಕಾ ಜೆರಿಚೊ ಮಾಡ್ ಅಡ್ಕಳ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಜೆರಿಕ್ ರಸ್ತೊ ಜಾಂವ್ಚೊ ನಾಕಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಜೊನಿಚ್ಯಾ ವಾಹನಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಘರಾಚೆರ್ ಧುಳ್ ಉಬಂವ್ಚೆಂ ತಾಕಾ ಪಸಂದ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತಿತ್ಲೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಜೊನಿಕ್ ಅಸಮಾಧಾನೆಂತ್ ತಶೆಂಚ್ ಹರ್ಶೆಂ ಒತ್ತಡಾಂತ್ ದವ್ರುಂಕ್ ಹೆಂ ಏಕ್ 'ಟ್ರಂಪ್' ಕಾರ್ಡ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ದೊಗಾಂ ಮಧೆಂ ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಉಲವ್ಣೆಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಜೊನಿನ್ ಜೆರಿಕ್ ಮಾಡ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಸಾಂಗ್ಚೆ ಬರಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಅಸಲ್ಯಾ ಸಂಧರ್ಬಾರ್ ಜೊನಿನ್ ಫಿರ್ಗಜ್ ಪಾದ್ರಿಚಿ ಸಸಾಯ್ ವಿಚಾರ್‌ಲ್ಲಿ.

ವಿಗಾರಾನ್ ವಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾನ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಘೆವ್ನ್ ವಿವಾದ್ ಪರಿಹಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ದೊಗಾಂ ಮಧೆಂ ವಾದ್-ವಿವಾದ್ ಚಲ್ಲೊ.

ಜೊನಿನ್ ರಸ್ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಅಡ್ಕಳ್ ಮಾಡ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಜೆರಿಚೆರ್ ಒತ್ತಡ್ ಗಾಲೊ.

"ಆಸ್ತ್ ವಾಂಟೆ ಕರ್ತಾನಾ ವ್ಹಡ್ ಭಾವ್ ಜೊನಿನ್ ಅಪುಣ್ ಮಾಲ್ಘಡೊ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಕಾರಣಾ ಖಾತಿರ್ ಮಾಲ್ಘಡೆಂ ಘರ್ ಆನಿ ಚಡಿತ್ ವಾಂಟೊ ದವರ್ಲಾ ಮ್ಹುಣ್ ಜೆರಿನ್ ಫಿರ್ಯಾದ್ ದಿಲಿ. ಸಮಾ ಸಮ್ ವಾಂಟೊ ದಿಲಾ ಆನಿ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ಮಾಪಾನ್ ನಾರ್ಲ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ಮಾಡ್ ವಾಂಟ್‌ಲ್ಲೆ. ಜೆರಿನ್ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ರಿತಿನ್ ಪೋಸ್ ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ ಪಾಡ್ ಕೆಲೆಂ" ಮ್ಹಣೊನ್ ಜೊನಿ ದುಸ್ರಾಲೊ.

ಮಾಡ್ ಕಾತರ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಪ್ಲಾಕ್ ವ್ಹಡ್ ಲುಕ್ಸಾಣ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ ಜೆರಿನ್ ವಾದ್ ಮಾಂಡ್ಲೊ.

ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಫಾಯ್ದೊ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾ ಬದ್ಲಾಕ್ ವಿಂಗಡ್ ಬರೊ ಫಳ್ ದಿಂವ್ಚೊ ಮಾಡ್ ದೀಂವ್ಕ್ ವಿಗಾರಾನ್ ಆನಿ ಗುರ್ಕಾರಾನ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ಉಚಾರ್ಲಿ.

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನಾಣಿಯೆಚೆರ್ ಬಾಗಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾಕ್ ಜೆರಿನ್ ಬಲಿ ವಿಚಾರ್ಲಿ ತರೀ ಜೊನಿ ಒಪ್ಲೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲೊ ನಾಂ.

ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಚೆಂ ಇತ್ಯರ್ಥ್ ಕೆಲ್ಯಾರೀ ತಾಂಚ್ಯಾ ತಾಂಚ್ಯಾ ದಿಷ್ಟಿಂತ್ ಸಮಾ ಸಮ್ ದಿಸ್ಲೆಂ ನಾಂ.

'ತುಮಿಂಚ್ ಸಮಾ ಸಮ್ ಕರ್ನ್ ಕಾಣ್ಬೆಯಾ' ಮ್ಹಣೊನ್ ಮಧ್ಯಸ್ಥಾನಿಂ ಜಾಗೊ ಖಾಲಿ ಕೆಲೊ.

ಜೊನಿಚಿ ನಾಕ್ಷಿ ಫಡಾ ಫಡ್ ದಿತಾಲಿ!

ಗೂಂಡ್ ಚಿಂತ್ನಾಂತ್ ಬುಡೊನ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಶೀನಾಕ್ ಜೊನಿಚಿಂ ಸಿಂತಿಮೆಂತಾಂ ಸಮ್ಜೊನಾಸ್ತಾನಾ ರಾವ್ಲಿಂನಾಂತ್.

"ಆಯ್ಕ್, ಜೆರಿ ನಾಯ್ಕ್ ಆಜ್ ಘರಾ ನಾಂ" ಶೀನಾ ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಕಾನಾನಿಂ ಪುಸ್ಪುಸ್ಲೊ.

ಜೊನಿಚಿ ಪ್ರಶ್ನಾರ್ಥಕ್ ದೀಷ್ಟ್ ಸಮ್ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಶೀನಾನ್ ಮುಂದರ್ಸಿಲೆಂ. ವಿಂವ್ಣ್ಯಾಗೆರ್ ಜೆವಾಣ್ ಆಸಾ. ಫಾಲ್ಯಾಂ ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾ! ಅವ್ಕಾಸ್ ಬರೊ ಆಸಾ.

"ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್!?" ಜೊನಿನ್ ಆಪ್ಲೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಭರ್ಲೊ.

ಜೊನಿಚೊ ಭಾಂದ್‌ಲ್ಲೊ ಕೊಂಬೊ ಭೋವ್ ರುಚಿಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಧಾದೊಶಿ ಮಾಪಾನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ಜೊನಿನ್ ಸೊರೊ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೊ. ಧನಿಯಾಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಬರ್ಯಾ ಮನಾನ್ ಶೀನಾ ಸಂತುಷ್ಟ್ ಜಾಲ್ಲೊ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾನಾ ಪ್ರತ್ಯುಪ್ಕಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಕಾ ಕುಮಕ್ ಕರುಂಕ್ ಆಶೆತಾಲೊ. ಭಿತರ್ ವಚೊನ್ 'ಹಿಂಗ್' ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಹಾಡ್.. ಬುರಾಕ್ ಕರ್ನ್ ಭಿತರ್ ಚೆಪ್ಲ್ಯಾರ್ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಮಾಡ್ ಮೊರ್ತಾ. ಶೀನಾ ಥಂಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಸಮಸ್ಯಾಂಕ್ ತುರ್ತ್ ಪರಿಹಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಹಿಂಗ್ ಆಸಾ ಯಾ ನಾಂ!? ಬುರಾಕ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ ಆವಾಜ್ ಯೇತ್ ತರ್? ಪಯ್ಸ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಆಯ್ಕೊಂವ್ಚ್ಯಾ ಆವಾಜಾನ್ ಬೊಂಡೆ ಚೋರ್ ಮ್ಹಣ್ ಕೊಣೀ ಉಟೊನ್ ಯೆತಿತ್ ತರ್!? ಮಾಡಾಕ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಬುರಾಕ್ ಜೆರಿನ್ ಪಳೆಲೊ ತರ್!? ಜೊನಿಕ್ ಉಪಾವ್ ತಿತ್ಲೊ ಜೊಕ್ತೊ ದಿಸ್ಲೊ ನಾಂ. ತಶೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆಂ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಉಪಾವಾಕ್ ಧಾಂಪಣ್ ಗಾಲೆಂ ನಾಂ.

ಪೆಟ್ರೋಲ್!!

ಎಕಾ ಬೊತ್ಲಿಂತ್ ಪೆಟ್ರೊಲ್ ಹಾಡ್ನ್ ಜೊನಿನ್ ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ದಿಲೊ. "ವ್ಹಯ್" ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಬರಿಂ ತಕ್ಲಿ ಹಾಲವ್ನ್ ಶೀನಾ ಮಾಡಾರ್ ಚಡ್ಲೊ. ಪೆಟ್ರೊಲ್ ಮಾಡಚ್ಯಾ ತಕ್ಲೆರ್ ಯಾ ಸುಳಿಯೆಕ್ ವೊತ್ಲೊ ತರ್ ಕ್ರಮೇಣ್ ಮಾಡ್ ಬಾವೊನ್ ಯೆತಾಲೊ ಆನಿ ಮೊರ್ತಾಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಜೊನಿನ್ ಖಂಯ್ಸರ್‌ಗೀ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲೆಂ.

ಶೀನಾ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಜಾಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ!

ಮಾಡಾರ್ ಚಡ್ಚೆಂಚ್ ಕಾಮ್ ಶೀನಾಚೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಹಾಕಾ ಚಡಿತ್ ವೇಳ್ ಲಾಗೊಂಕ್

ಾತ್ಲ್ಲೆಂ...

ದೀಸ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೆ... ಮಹಿನೊ ಜಾಂವ್ಕ್ ಆಯ್ಲೊ...

ಮಾಡ್ ಬಾವೊನ್ ಆಯ್ಲೊ. ಪಯ್ಲೆಂ ತಕ್ಲೆರ್ ಥಾವ್ನ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮುಳಾಕ್... ಶೀನ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಾಗ್ಲಾರ್ ಉಭೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ಮಸ್ಕ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ಶೀನಾಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ಬಾವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಾಡಾಚ್ಯಾ ತಕ್ಲೆ ಥಾವ್ನ್ ಮುಳಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಚರವ್ನ್ ಲುಂಗಿ ಅರ್ಧುನ್ ಬಾಂದ್ಲಿ. ಧವ್ಯಾ ಮಿಶ್ರಿತ್ ಾತಳ್ ಖಾಡ್ ಎಕಾ ಹಾತಾನ್ ಕೊರ್ಪುನ್ ಕಿತೆಂಗೀ ಗೂಂಡ್ ಚಿಂತ್ಪಾರ್ ಪಡ್ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿಂ ಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಶೀನಾಕ್ ಬಾಂಕಾರ್ ಬಸೊಂಕ್ ಜೆರಿನ್ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲೊ.

ಶೀನಾ ಪೂಜಾರಿ!!

ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ಥಾವ್ನ್ ಫರ್ಲಾಂಗಾ ಪಯ್ಸ್ ಕಚ್ಚಾ ರಸ್ತೊ ಮುಗ್ದಾತಾ ತರ್ ಅನ್ಯೆಕಾ ಫರ್ಲಾಂಗಾ ಪಯ್ಸ್ ತಾಚೊ ವ್ಹಡ್ ಭಾವ್ ಜೊನಿಚೆಂ ಘರ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ದಾವ್ಯಾ ಕುಶಿನ್ ಪಡ್ತಾಲೆಂ ರ್ ಹಾಂಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮಧೆಂ ತ್ರಿಕೋನಾಕಾರಾಂತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ಚಿಕ್ಕೆಂ ಪಯ್ಸಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಶೀನಾಚೆಂ ಿಡಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ. ಜೊನಿ-ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಒಕ್ಲಾಂಚಿಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲಿಂ. ಬೆಸಾಯ್ ಆನಿ ಮೊಡಾಂ ತೊಟಾನಿಂ ತ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಶೀನಾಚೊ ಬಾಪಯ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಲೊ ತರ್ ತಾಂಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಿಚ್ಚ್ ರೀತ್ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಸಂತತೆಕ್‌ಯಿ ದೆಂವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ. ಶೀನಾಕ್ ಜೊನಿ ವ್ಹಡ್ ಧನಿ ತರ್ ಜೆರಿ ಲ್ಹಾನ್ ಸಾವ್ಕಾರ್!! ಜೊನಿಚ್ಯಾಕೀ ದೋನ್ ವರ್ಸಾಂ ಲ್ಹಾನ್ ತರ್ ಜೆರಿ ವರ್ನಿಂ ಲಗ್ಬಗ್ ಏಕ್ ವರಸ್ ವ್ಹಡ್ ತೊ.

ಭುರ್ಗೆಪಣ್ ತಾಣಿಂ ಸಾಂಗಾತಾಂ ಕಾಮ್ ಆನಿ ಖೆಳಾಂತ್ ಖರ್ಚಿಲ್ಲಿಂ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ದೊಗಾಂ ಭಾಭಾವಾ ಮಧೆಂ ಕಠಿಣ್ ದುಸ್ಮಾನ್ಕಾಯ್ ಉಬಿ ಆಸ್ಲ್ಲಿ ತರೀ ಶೀನಾಚೊ ಸಂಬಂಧ್ ದೊಗಾಂ ಥಂಯ್ ಸಮೊನ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ದೊಗಾಂಯ್ ಭಾವಾನಿಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪಾಡ್ತೆಕ್ ವೊಡುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರುಂಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ಹಾಚೆ ವರ್ಗಿಂ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಫಾಯ್ದೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ತಾಂಕಾಂ ಶೀನಾ ಮಾರಿಫಾತ್ ಎಕಾಮೆಕಾಚೆ ಖಬ್ರೊ ಮೆಳ್ತಾಲೆ ತರ್ ಶೀನಾಕ್ ಸೊರ್ಯಾಚಿ ಬಂದಬಸ್ತ್ ಜಾತಾಲಿ.

ಮಾಡಾರ್ ಚಡೊನ್ ನಾರ್ಲ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಶೀನಾ ತಿತ್ಲೊ ಚತುರ್ ತ್ಯಾ ವಠಾರಾಂತ್ ಕೊಣೀ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಸೊರೊ ಪಿಯೆವ್ನ್ ಜೀಬ್ ಗುಸ್ಪೊಡೊಂಕ್ ಪುರೊ. ಪಾಂಯ್ ಲಕೊಂಕ್ ಪುರೊ. ಪುಣ್ ಮಾಡಾರ್ ಚಡೊಂಕ್ ತಾಕಾ ದೀಸ್ ಯಾ ರಾತ್. ಪಾವ್ಸ್ ಯಾ ವೋತ್! ವ್ಹಡ್ ಯಾ ಲ್ಹಾನ್ ತಾಕಾ ಗಣ್ಣೆಂ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ಅಶೆಂ ವಠಾರಾಂತ್ ಸರ್ವಾಂಕ್ ತಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ ಆನಿ ಆಜ್ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ಸಾಂಜೆಚಿ ಮಾಂಡವಳ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ಆಯ್ತಾರಾಚೆಂ ಜೆರಿಗೆರ್ ಮಾಸಾ ಜೆವಾಣ್ ಆಸ್ತಾ ಆನಿ ತಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಬರೆಂಚ್ ರಾಂದ್ತಾ ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ವೊರಾಂ ರಾತಿಚಿಂ ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ತೀನ್ ಕ್ವಾಟರಾಂ ಕಾಬಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಚವ್ತೆಂ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ. ಜೆರಿನ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿ ಮಾಸ್ ಚಾಕ್ನ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೆಂ! ಶೀನಾಕ್ ಇತ್ಲೆಂ ರುಚಿಕ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಕೀ ತೊ ಹಾತಾಚಿ ಬೊಟಾಂ ಲೆಂವ್ತಾಲೊ. ಶೀನಾ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚ್ಯಾ ಧಾದೊಶಿ ಮನಾಂಕ್ ಮೆಚ್ವಾಲ್ಲೊ ಪಾಟಿಂ ದಿಂವ್ಚೆಂ ತಸಲೆಂ ತಾಚೆ ಕಡೆನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಜೆರಿಕ್ ಸಂತುಷ್ಟ್ ಕರುಂಕ ತೊ ಆಶೆಲೊ. ಮೆಲ್ಲೊ ಮಾಡ್!!

ತಿದೊಡೊ ಫಾಯ್ದೊ! ಜೊನಿಕ್... ಜೆರಿಕ್... ಆನಿ ಆಪ್ಣಾಕ್!!

ಉಪ್ಕಾರಾಕ್ ಪಡಾ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾಕ್ ಆಪ್ಣಾನ್ ಗಿರಾಯ್ಕ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಜೆರಿಕ ಕಾಂಯ್ ತರೀ ಪಯ್ಶೆಂ ಮೆಳ್ತಾಲೆ.

ಜೊನಿಕ್ ಘರಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಕಾರ್ ಹಾಡುಂಕ್ ರಸ್ತೊ ಜಾತಾಲೊ! ಆನಿ ಲಾಂಕುಡಾಚ್ಯಾ ದುಖಾನ್ ವಾಲ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಕಮಿಶನ್!! ಚವ್ತೆಂ ಕ್ವಾಟರ್ ಉಗ್ತೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ...

ಜೆರಿ ಮುಕಾರ್ ಶೀನಾನ್ ಎಕಾ ಬುದ್ವಂತ್ ವ್ಯಾಪಾರ್ಯಾ ಬರಿಂ ಪ್ರಸ್ತಾವ್ ದವರ್‌ಲ್ಲೊ!!

ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಚೆಂ ಮೌನ್!!

ಆನಿ ಏಕ್ ದೀರ್ಘ್ ದೀಷ್ಟ್ ಜೆರಿಚಿ ತ್ಯಾ ಸುಕ್‌ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾಚೆರ್ ಜೆರಿನ್ ವ್ಹಡ್ ಏಕ್ ಫೊಟ್ ಮಾರ್ಲೊ!

ನಿರ್ಧಾರ್ ತಾಣೆಂ ಕರ್ನ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

"ನಾಂ" ಬೊಬಾಟ್ಲೊ ತೊ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಲ್ವಣೆಂತ್ ಅನ್ಯೇಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಜಯ್ತ್? ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದುಃಖಿಂತ್ ತಾಕಾ ಸಂತೊಸ್!? ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಷ್ಟಾಂತ್ ತಾಚೊ ಫಾಯ್ದೊ!?

"ಕೆದಿಂಚ್ ನಾಂ!"

ಹಾಂಗಾಸರ್ ಶೀನಾನ್ ಚಿಂತ್‌ಲ್ಲೆ ಬರಿಂ ಜಾಲೆಂ ನಾಂ.

ಸೊರೊ ಮುಗ್ದಲ್ಲೊ! ದೊಗಾಂಕೀ ಧಾದೊಶಿಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ!

ಶೀನಾಕ್ ಜೆರಿಚಿಂ ಸಿಂತಿಮೆಂತಾಂ ಸಮ್ಜಾಲಿಂ...

ತ್ಯಾ ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಪೊಲ್ಯಾನಿಂ ದೆಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚಿಂ ದುಃಖಾಂ ತಾಣೆಂ ಪಳೆಲಿಂ...

ಜೊನಿ ಆನಿ ಜೆರಿ ಮಧೆಂ ವಾಂಟೊ ಜಾತಾನಾ ಸಮಾಸಮ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ಜಾಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ!

ನೀಜ್ ಜಾವ್ನ್ ತಾಕಾ ಜೆರಿಚಿ ಭಿರ್ಮತ್ ದಿಸ್ಲಿ!

ತುಜೊ ಮಾಡ್ ಕಸೊ ಮೆಲೊ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್‌ಗೀ?

ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಪುಸ್ಪುಶ್ಯಾಂಕ್ 'ನಾಂ' ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಬರಿಂ ಜೆರಿನ್ ಮಾತೆಂ ಹಾಲಯ್ಲೆಂ.

ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಧನಿಯಾನ್ ಮಾಡಾಚ್ಯಾ ತಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಸುಳಿಯೆರ್ 'ಪೆಟ್ರೊಲ್' ವೊತುನ್ ತಾಕಾ ಲಗಾಡ್ ಕಾಡ್ಲೊ!

ಪತ್ರ್ಯಾನ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಗಂಭೀರ್ ಮೌನ್ ರಾಜ್ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ತೀನ್ ಮಿನುಟಾಂಚ್ಯಾ ಮೌನಾಂತ್ ಫಕತ್ತ್ ಜೆರಿಚೊ ಬರಾಧಿಕ್ ಉಸ್ವಾಸ್ ಆಯ್ಕಾತಾಲೊ...

ರಾಗಾನ್ ಮುಟಿ ಅರ್ನಿಲ್ಲೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ. ದಾಂತ್ ಕಿರ್ಲೊಣ್ಯಾಚೊ ಭಾಸ್ ಜಾತಾಲೊ...

ತಾಚ್ಯಾ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬಾರಾಯೆರ್ ರಸ್ತ್ಯಾ ದೆಗೆನ್ ಚಾಂದ್ಯ್ಯಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ಕಿತೆಂಗೀ ಪೆರ್ಜಳ್ಚೆಂ ತಾಕಾ ಭಾಸ್ ಜಾಲೆಂ.

ಜೊನಿಚೆಂ ಕಾರ್!!

ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವೆಳಾ ಆದಿಂ ಶೀನಾನ್ ತಾಕಾ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ನಾಕಾ ಜಾಲ್ಲಿ ಖಬಾರ್ ದಿಲ್ಲಿ.

ಶೀನಾ, ಸಬಾರ್ ವರ್ಸಾಂದಿಂ ಥೊಡೊ ತೇಂಪ್ ತುವೆಂ ಗ್ಯಾರೆಜಿಂತ್ ಕಾಮ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಮ್ಹಾಕಾ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಸಾ. ಗಾಡಿ ಧುಂವ್ಚಿ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಆನಿ ಕಿತೆಂ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್? ಚಲ್ಚಿ ಗಾಡಿ ಚಲಾನಾತ್ಲ್ಲೆ ಬರಿಂ ಕರುಂಕ್? ಜೆರಿ ಫಾರಿಕ್ಷಣಾಕ್ ಉಪಾವ್ ಸೊಧ್ತಾಲೊ.

"ಪೆಟ್ರೊಲ್ ಟಾಂಕಿಯೆಂತ್ ಫಾತರ್, ಸಾಕರ್ ಯಾ ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಗಾಲ್ತೆ ವಿಶಿಂ ಆಯ್ಕಲಾಂ" ಶೀನಾ ಮತ್ಲಬ್ ಸಮ್ಜಾಲ್ಲೊ.

ಶೀನಾ, ಮಾಲ್ಘ್ಯಾರ್ ಬಳಾನ್ ಮಾರುಂಕ್ ಜಾಯ್. ತಿತ್ಲೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಕೊಣೆಂ ಆನಿ ಖಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕಳಿತ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಜೊ. ಪೆಂಕ್ಡಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಮಾರ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಫಾಯ್ದೊ?

"ಮ್ಹಣ್ಜೆ!? ಸಾರ್ಕೆಂ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ನಾಂ ಧನಿಯಾ" ಶೀನಾ ಗುಸ್ಪಡ್ಲ್ಲೊ.

"ಎಂಜಿನ್ *(Engine)* ಜಾವ್ನಾಸಾ ಗಾಡಿಯೆಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್.ಆನಿ ಕಾಳಿಜ್ ಕಾಮ್ ಕರಿನಾಂ ತರ್ ಜೀವಾಚೊ ಅರ್ಥ್ ನಾಂ" *Engine oil*(ಎಂಜಿನಾಚೆಂ ತೇಲ್) ಟಾಂಕಿಯೆಂತ್ ದೋನ್ ಜಿವಿಂ ತಾಂತ್ಯಾಂ ಭರ್ಶಿಲ್ಯಾರ್ ಎಂಜಿನಾ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಉಷ್ಣತೆಂತ್ ಭಿತರ್ 'ಆಮ್ಲೆಟ್' ಜಾತಾ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ಚಲಾತ್ತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಗಾಡಿ ಆಪ್ತೆಂಚ್ ಬಂಧ್ ಪಡ್ತಾ. ಕಾರಾಣ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಡ್ಚೆಂ ಕಷ್ಟಾಂಚೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ಲಾಂಬ್ ಕಾಳಾಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ತಾ". ಜೆರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಮುಗ್ತಾತಾನಾ ತಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ದೋನ್ ತಾಂತಿಯಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಚಂದ್ರಿಮಾಚ್ಯಾ ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡಾನ್ ಶೀನಾ ತಾಂತಿಯಾಂ ಥೆವ್ನ್ ಗಾಡಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಚಮ್ಕೊಂಚೆಂ ಜೆರಿನ್ ಅಂಗ್ಣಾ ಥಾವ್ನಾಂಚ್ ಚೊಯ್ಲೆಂ. "ಎದೊಳ್ ತುಕಾ ಕಳಿತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆಜ್ ಆಯ್ಕಾಲೆಂಯ್ ಆನಿ ಥಾಲ್ಯಾಂ ತೆಂ ರುಜು ಜಾತಾಲೆಂ" ಜೆರಿಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಪತ್ತ್ಯಾನ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಾಡುನ್ ಎಂಜಿನಾಚ್ಯಾ ತೇಲಾಂತ್ ತಾಂತ್ಯಾ ಫೊಡ್ನ್ ಗಾಲಿಂ. ಅಸೊ ದುಸ್ರೊ ಸಕಾಳ್ ಉದೆಲೊ...

ಹರ್ಶೆಂಚ್ಯಾ ಬರಿಂ ವಠಾರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಇಸ್ಕೊಲಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಪಾವಂವ್ಚ್ಯಾ ಕಾಮಾರ್ ಜೊನಿನ್ ಗಾಡಿ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲಿ.

ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್ ಲಾಗಿಂ ಜಾತಾನಾ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಗಾಡಿ ಬಂಧ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲಿ...

ಉಪ್ರಾಂತ್ ಬಜಾರಾ ಕಡೆನ್ ವೆತಾನಾ ದುಸ್ರೆಂ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬಂಧ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲಿ. ಸಬಾರ್ ಪ್ರಯತ್ನಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಚಲ್ಲಿ ತರೀ ಘರ್ಚ್ಯಾ ವಾಟೆರ್ ಪತ್ತ್ಯಾನ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲಿ.

ಘರಾ ಥಾವ್ನ್ ಎಕಾ ಫರ್ಲಾಂಗಾ ಪಯ್ಸ್ ಬಂಧ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹರ್ ಪ್ರಯತ್ನಾನಿಂ ಪತ್ತ್ಯಾನ್ ಚಾಲು ಜಾಲಿ ನಾಂ. ದೆದೆಸ್ಪೊರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊನಿನ್ ಟಯರಾಂಕ್ ಬಳಾನ್ ಖೊಟ್ ಮಾರ್ನ್ ಘರ್ಚಿ ವಾಟ್ ಧರ್ಲಿ.

ವೊರಾಂ ಸಾಕಾಳಿಂಚಿಂ 9.43 ಜಾತಾಲಿಂ...

ಏಕ್ ಬೊಬಾಟ್ ಆಯ್ಕಾಲಿ...

ಜೆರಿ ಉದೆಂತಿಚ್ಯಾ ತೊಟಾ ತೆವ್ಹಿಂ ಧಾಂವ್ತಾಲೊ...

ಚಿಕ್ಕೆಶೆಂ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಜೆರಿಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಸಾರಾರಾಂ ಮೆಟಾಂನಿಂ... ಗೆಂದಾಳಿ ಮಾಡಾ ಮುಳಾಂತ್ ಸುತ್ತುರಾಚೊ ಲೋಕ್ ಜಮ್‌ಲ್ಲೊ!!

"ಶೀನಾ ಪೂಜಾರಿ ಮಾಡಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಪಡ್ಲಾ" ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಖಬಾರ್ ಫಡ್ಯೆನ್ ವಿಸ್ತಾರ್ಲಿ!!

ಮಾಡಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ ಶೀನಾ ದುಕೆನ್ ಪಿಂಗ್ರಾತಾಲೊ.

ಜಮ್‌ಲ್ಲೊ ಲೋಕ್ ಜೊನಿಚ್ಯಾ ಗಾಡಿಯೆರ್ ಗಾಲ್ನ್ ಆಸ್ಪತ್ರೆಕ್ ವ್ಹರ್ಚಿ ವಿಲೆವಾರಿ ಕರ್ತಾಲೊ...

ಏಕಾ ಫರ್ಲಾಂಗಾ ಪಯ್ಸ್ ಪಾಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಉಬಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಗಾಡಿಯೆಕ್ ಚಾಲು ಕರ್ನ್ ನಶೀಬಾಕ್ ಭರ್ವಸ್ಯಾಚ್ಯ ಜೊನಿಕ್ ಅದ್ರುಷ್ಟಾನ್ ಹಾತ್ ಧರ್ಲೊನಾಂ.

ಅರ್ಧ್ಯಾ ವೊರಾಚ್ಯಾ ಪ್ರಯತ್ನಾ ನಂತರ್ ಲೊಕಾ ಜಮ್ಯಾ ಮಧ್ಲ್ಯಾ ಎಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಎಂಬುಲೆನ್ಸಾಕ್ ಉಲೊ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೊ.

ಅಖ್ರೇಕ್ ತರೀ ಶೀನಾ ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೊ!!

ಆನಿ ಆಸ್ಪತ್ರೆಚ್ಯಾ ಖಾಟ್ಲ್ಯಾರ್ ಶೀನಾನ್ ಅಖ್ರೇಚೊ ಸ್ವಾಸ್ ಸೆಂಪ್ಲೊ!!

ಶೀನಾ ಮರೊನ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ!!

ದಾಕ್ತೆರಾಂಚ್ಯಾ ಅಭಿಪ್ರಾಯೆ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಅರ್ಧ್ಯಾ ವೊರಾಚಿ ಗಳಾಯ್ ಜಾಲ್ಲಿ!

'ಜೊನಿಚಿ ಗಾಡಿ ಪಾಡ್ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ ತರ್ ಶೀನಾ ವಾಂಚ್ತಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ' ಲೋಕ್ ಚುರ್ಚುರ್ತಾಲೊ!

ಆನಿಂ ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಮರಣಾಚೊ ಚಟ್ಟಾ ತಯಾರ್ ಜಾತಲೊ.... ವೊರಾಂ 12:23 ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲಿಂ...

ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಮೊಬಾಯ್ಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಕ್ ಫೋನ್ ಆಯ್ಲೊ... ಜೆರಿ ದೆಗೆನ್‌ಂಚ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಶೀನಾಚ್ಯಾ ಮೊಡ್ಯಾಕ್ ಚಟ್ಟಾ ದವರುಂಕ್ ಸುಕ್ಯಾ ಮಾಡಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ...

ಲೊಕಾ ಮಧ್ಲ್ಯಾ ಕೊಣೆಂಗೀ ಜೆರಿಚ್ಯಾ ಮೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಡಾ ವಿಶಿಂ ಉಲ್ಲೇಖ್ ಕೆಲ್ಲೊ...

ಜೆರಿ ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಪಡ್ಲೊ.

"ಜೆರಿ ಘರಾ ನಾಂ, ಭಾಯ್ರ್ ಗೆಲಾ" ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಜೆರಿ ಚೊರಿಯಾಂ ನಿಸ್ರಾಲೊ...

ಶೀನಾಚ್ಯಾ ನಿರ್ಜೀವ್ ಕುಡಿ ಥಾವ್ನ್ ಉಜ್ಯಾಚೆ ಜಿಬೊ ಅಂತ್ರಾಳಾಕ್ ಉಬ್ತಾಲೆ ತರ್ ಕುಡಿಂತ್ಲೆಂ ತೇಲ್ ಆನಿ ಉದಾಕ್ ಜಳ್ಚ್ಯಾ ಲಾಂಕುಡಾ ಮಧೆಂ ಧರ್ಣಿರ್ ದೆಂವ್ತಾನಾ ಲೋಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾಚಿ ಸಾಕ್ಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಭೊಂವ್ತಿ ಉಬೊ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ!!!

*** – ***

ಟೇಬಲ್ ನಂ 13

ಜನೆರ್ 14 ತಾರಿಕ್ 1987.

ಹೊ ದೀಸ್ ರೋಹನಾಕ್ ವಿಸ್ರೊಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್ಲ್ಲೊ ದೀಸ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ.

ರೋಹನಾಚೆರ್ ಉಗ್ತ್ಯಾನ್ ಹಲ್ಲೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ತೀನ್ ವರ್ಸಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಮ್ಹಣ್ಜೆ ಧಾವೆಂತ್, ಇಕ್ರಾವ್ಯಾಂತ್ ಆನಿ ಬಾರಾವ್ಯಾ ಕ್ಲಾಸಿಂತ್ ಖೆಳಾಂತ್ ಚಾಂಪಿಯನ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ. ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವೆಳಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಚಾಂಪಿಯನಾಚೆಂ ಕಪ್ ಉಬಾರ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಘಡಿತಾನ್ ತಾಕಾ ದುಖೆಸ್ತ್ ಕೆಲ್ಲೊ. ಖೆಳಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪ್ರೇಮಿಂಚೊ 'ಹೀರೊ'ಕ್ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಮೈದಾನಾರ್ ಮಸ್ತಿಲ್ಲೆಂ.

ಎಕಾ ಕಾಳಾಚ್ಯೊ ಖಾಸ್ ಮಿತ್ತ್ರ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಜಯ್ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾನಿಂ ಕಪ್ ಉಬಾರ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾರಂಭಾಂತ್ ಅವ್ಮಾನ್ ಭರಿತ್ ಉತ್ರಾನಿಂ ಬೊಬಾಟ್ ಮಾರ್ಲ್ಲಿ.

'ಬ್ಲ್ಯಾಕೀ' ಮ್ಹಣ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಯಾ ಕಾತಿಚ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ ತಮಾಷೆ ಕೆಲ್ಲೆ.

ತ್ಯಾ ರಾಗಾನ್ ರೋಹನಾನ್ ವಿಜಯಾಚ್ಯಾ ಕಾನ್ಸುಲಾರ್ ಬಳಾನ್ ಅರ್ನುನ್ ಥಪಾಡ್ ಮಾರ್ಲ್ಲೆಂ. ತಾಚೊ ಪರಿಣಾಮ್ ಜಾವ್ನ್ ವಿಜಯಾಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾಂನಿ. ರೋಹನಾಚೆರ್ ಅಕ್ರಮಣ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಎಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಸ್ಪಾಯ್ಕ್ಸ್ *(SPICS)* ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಚ್ಯಾನಿಂ ತಾಚೆಂ ಜಾಂಗ್ಳಾಂಕ್ ಬುರಾಕ್ ಕೆಲ್ಲೊ ತರ್ ಅನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾನ್ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಪಂಚ್ ಮಾರ್ಲ್ಲೆಂ. ತಿಸ್ರ್ಯಾನ್ ಪೊಟಾಕ್ ಮುಟಿಂಚೊ ಶಿಂವೊರ್ ವೊತ್ಲ್ಲೊ.

ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಅಚಾನಕ್ ತಶೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ ತರೀ ಬರಿಚ್ಚ್ ತಯಾರಾಯೆ ಸಂಗಿಂ ಹೆಂ ಘಡಿತ್ ಜಾಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ ರೋಹನಾಕ್ ಭೊಗ್ಲ್ಲೆಂ. ಏಕ್ ನಹಿಂ ತರ್ ಏಕ್ ದೀಸ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ತಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಪರಿಂ ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ದುಬಾವ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಪಾಂಯಾಚ್ಯಾ ಜಾಂಗ್ಳಾ ಥಾವ್ನ್ ತಶೆಂಚ್ ಕಪಾಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಝುರಿ ಬರಿಂ ದೆಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ರಗಾತ್ ತಾಣೆ ಪುಸುನ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಭಗ್ಲ್ಲಿ ನಾಲಿಸಾಯ್ತಾಕಾ ಪೊಸುನ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಜಾಲೆಂ ನಾಂ. ಬ್ಲ್ಯಾಕಿ!! ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಯಾ ರಂಗಾಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವಾಚೆರ್ ಹಲ್ಲೊ ಜಾಲ್ಲೊ. ಬಾಪಯ್ ತಾಚೊ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಇಸ್ಕೊಲಾಚೊ ಮೆಸ್ತ್ರಿ! ತಾಚ್ಯಾ ಅಸ್ತಿತ್ವಾಚೆರ್ ಆಕ್ರಮಣ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ರೂಬಿ ಥಂಯ್ಸರ್ ಉಬೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ!

ರೂಬಿಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ವಿಜಯ್ ಆನಿ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾನಿಂ ಆರಾಯಿಲ್ಲೊ ರೋಹನಾಚೊ ಶರ್ಟಾಚೊ ಕೊಲ್ಲರ್ ಸೊಡುನ್ ತಾಣಿಂ ಜಾಗೊ ಖಾಲಿ ಕೆಲ್ಲೊ.

ಕಿತ್ಯಾಕ್!? ಝುಗ್ಡ್ಯಾಚೆಂ ಮೂಳ್ ಕಾರಣ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಹಾಜರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಕಾರಣಾಕ್ ಲಾಗುನ್ ದೋನ್ ಆಪ್ತ್ ಮಿತ್ರಾಂ ಮಧೆಂ ದುಸ್ಮಾನ್ಕಾಯ್ ಉಬಿ ಜಾಲ್ಲಿ.

ರೋಹನ್, ಅಶೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಜೊ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ. *'I am so sorry to see you'* ರೂಬಿನ್ ಭಿರ್ಮತ್ ಉಚಾರ್ಲ್ಲಿ. 'ಹಾಕಾ ತುಂ ಏಕ್ ಕಾರಣ್ ಜಾವ್ನಾಸಾಯ್' ರೋಹನಾನ್ ಶೀದಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ರೂಬಿಚೆರ್ ಅಪ್ರಾದ್ ಮಾಂಡ್ಲೊ.

'ಹಾಂವ್ ಕಶೆಂ? ಮತ್ಲಬ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ನಾಂ' ಕಪಾಲಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ರಗಾತ್ ಪಳೆವ್ನ್ ರೂಬಿನ್ ಆಪ್ಲೊ ತುವಾಲೊ ಒಡ್ಡಾಯ್ಲೊ.

'ನೆಣಾರ್ಪಣಾಚೊ ವೇಸ್ ಪಾಂಗುರ್ನಾಕಾ' ರೋಹನಾನ್ ರೂಬಿಚೊ ತುವಾಲೊ ಇನ್ಕಾರ್ ಕರುನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಹಾತಾಂನಿಂ ಕಪಾಲ್ ಗಸ್ಪಿಲೆಂ.

'ತುವೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ಸೊಡವ್ನ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾಂಯ್' ರೂಬಿ ಥಂಯ್ ಗುಸ್ಪೊಡಾಯ್ ದಿಸೊನ್ ಆಯ್ಲಿ.

"ಸ ಮಹಿನ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಮ್ಹಜೆ ಥಂಯ್ ಇತ್ಲೆಂ ಲಾಗ್ಗಿಲೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತುಂ ಆತಾಂ ಕಶೆಂ ಇತ್ಲೆ ಪಯ್ಸ್ ಜಾಲೆಂಯ್? ಗೊರ್ಯಾ ಕಾತಿಚೆಂ ಆಕರ್ಷಣ್? ತ್ಯಾ ಗಿಟಾರಾ ಥಾವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ಸುಮಧುರ್ ಅವಾಜ್? ಯಾ ಮೊಟಾರ್ ಬೈಕಾಚೆರ್ ಭಂವ್ಚಿ ಆಶಾ?" ರೋಹನಾನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ದಾಕ್ಷಿಣ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಸವಾಲಾಂ ಉಡಯ್ಲಿಂ.

ರೋಹನ್ ವಿಜಯಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ವಾಪಾರಿನಾಸ್ತಾನಾ ಉಲಯ್ಲೊ ತರೀ ಉಲ್ಲೇಖ್ ತಾಚೆ ವಿಶಿಂಚ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ರೂಬಿಕ್ ಸಮ್ಜಾಲೆಂ. "ತುಜ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಚೆರ್ ತುಕಾ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಹಕ್ಕ್ ಆಸಾ ಆನಿ ಹಾವೆಂ ಆಯ್ಕೊಂವ್ಚೆಂ ಗರ್ಜ್ ಮ್ಹಣ್ ಭೊಗ್ತಾ" ಶಾಂತ್ ರಿತಿರ್ ರೂಬಿನ್ ಮುಂದರುಂಕ್ ಉಲೊ ದಿಲೊ.

ಚಾಮ್ಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ರಂಗಾಚೆರ್ ಗರ್ವ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಚಡಿತ್ ಕಾಳಾಕ್ ತಿ ಬಾಳ್ವಾನಾ. "ಕುಡಿ ಭಿತಲ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಸರ್ವಾಂ ಥಂಯ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾಂ" ವಿಜಯ್ ಆನಿ ರೂಬಿ ವಿಶಿಂ ಕೊಡ್ಸಾಣ್ ರೋಹನಾ ಥಂಯ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲಿ.

ತುಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಭಯಾನಕ್ ತೂಫಾನ್ ಹಾಂವ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಆಸಾ. ಹ್ಯಾ ಕ್ಷಣಾ ತುಜ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಜವಾಬ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಹಾಂವ್ ಸಕ್ಣಂ ನಾಂ. ಉತ್ರಾಂ ಸಂಗಿಂ ರೂಬಿನ್ ಪಾಟ್ ಕೆಲಿ. ಪಯ್ಸ್ ಪಯ್ಸ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ತೊ ತಾಚಿ ಪಾಟ್ ಪಳೆವ್ನ್ ರಾವ್ಲೊ. ಆನಿ ಕೆದಿಂಚ್ ತೆಂ ಪಾಟಿಂ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ನಾಂ?

ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ಅಸಲೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಉದೆಲೆಂ ತರೀ ಖಂಡಿತ್ ಪಾಟಿಂ ಯೆತಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಭರ್ವಸ್ಲೊ ತೊ... ತಿತ್ಲ್ಯಾ ಸಲೀಸಾಯೆನ್ 30 ವರ್ಸಾಂ ತಾಣೆಂ ವಿಸ್ರೊಂಚೆಂ ಬರಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ಯುವಕ್ ಸಂಘ್ ಥಾವ್ನ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಒಳಕ್... ಬ್ಯಾಡ್ಮಿಂಟನ್ ಕೋರ್ಟಾಂತ್ ಇಷ್ಟಾಗತೆಂತ್ ಬದ್ಲಾಲ್ಲಿ.

ಸದಾಂ ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ಖೆಳಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಸಳಾವಳೆಂತ್ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ರುಪಾರ್ ರೊಂಬ್‌ಲ್ಲಿ ತಿ ತಾಕಾಚ್ಚ್ ಕಳಿತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಸದಾಂಚ್ ತಾಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ. ದೀಸ್ ಆನಿ ರಾತ್! ಜೆವ್ತಾನಾ ಯಾ ನಿದ್ತಾನಾಂ! ಆನಿ ಕಸಲ್ಯಾಚಿಚ್ಚ್ ಪರ್ವಾ ನಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್. ಪಿಂತುರಾನಿಂ ಪಳೆವ್ನ್ 'ಅಶೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾಂ' ಮ್ಹಣೊನ್ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಲಾಗಿಂ ಶರ್ತಾಂ ಮರ್ಲ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿ ಥಂಯ್ಚ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ತಾಂಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಲ್ಹಾನ್ ಪ್ರಾಯೆಚಿ ಚಿಂತಾ ತಾಕಾ ಜಾಲಿ ನಾಂ. ರೂಬಿಚ್ಯಾ ಬಾವ್ಲೆ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ಸೊಭಾಯೆ ಸಂಗಿಂ ಆಪ್ಲಾಚೆಂ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್ ತುಲನ್ ಕರುಂಕ್ ತೊ ಸಕ್ಲೊ ನಾಂ.

ತಾಂಚೆ ಮಧ್ಲ್ಯಾ ಆರ್ಥಿಕ್ ಅಂತಸ್ತೆಚಿ ಪರ್ವಾ ತಾಣೆಂ ಕೆಲಿ ನಾಂ. ರೂಬಿ ಥಂಯ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಚಿ ಭೊಗ್ಣಾಂ ಉಚಾರ್ಚೆಂ ಧಯ್ರ್ ಕರುಂಕ್ ತಾಚೆ ಥಂಯ್ ಜಾಲೆ ನಾಂ.

ಫಕತ್ ತಾಚೊ ಮೊಗಾಚೊ ಮಿತ್ರ್ ವಿಜಯ್ ಮತಾಯಸಾಚ್ಯಾ ಖಾಂದ್ಯಾರ್ ತಕ್ಲಿ ದವರ್ನ್ ಸ್ವಪ್ಣಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೊ.

ವಿಜಯ್ ರೋಹನ್ ಆನಿ ರೂಬಿಚೊ ಸಾಮಾನ್ಯ್ ಮಿತ್ರ್ ಜಾವ್ನ್ ಉದೆಲ್ಲೊ.

ಕ್ರಮೇಣ್ ರೂಬಿಚ್ಯಾ ನಾಜೂಕ್ ಹಾತಾಂತ್ 'ಟೆನಿಸ್ ಎಲ್ಬೊ' *(Tennis Elbow)* ದೂಖ್ ಉಬ್ಜಾಲ್ಲಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಖೆಳೊಂಕ್ ದಾಕ್ತೆರಾನ್ ಅಡ್ವಾರ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಬ್ಯಾಡ್ಮಿಂಟನ್ ಖೆಳಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ರಾವಾಜಾಯ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ರೂಬಿನ್ ಸಂಗೀತಾಂತ್ ಅಭಿರುಚ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ವಿಜಯ್ ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಸಂಗೀತ್ ಕ್ಷೇತ್ರಾಂತ್ ಸಕ್ರಿಯ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಏಕ್ ಬರೊ ಗಿಟಾರ್ ವಜಂತ್ರಿ.

ಕಾಲೇಜಿಚ್ಯಾ ಬ್ಯಾಂಡಾಚೊ ಪ್ರಮುಖ್ ಸಾಂದೊ.

ಹಾಚೆ ವರ್ವಿಂ ತಾಂಚೊ ಸಾಂಗಾತ್ ವಾಡಾತ್ತ್ ಗೆಲೊ.

ವಿಜಯಾಚ್ಯಾ ಮೊಟಾರ್ ಬೈಕಾರ್ ಹಿ ಜೊಡಿ ಕಾಲೇಜಿಚ್ಯಾ ವಠಾರಾಂತ್ ಸದಾಂಚಿ ಜಾಲಿ.

ವಿಜಯಾಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ವರ್ತುಲಾಂತ್ ರೂಬಿ ದಿಸೊನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ.

ಖೆಳಾ ಮೈದಾನಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ರೂಬಿ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಭೆಟೆಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಹೊಗ್ಡಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ಲೆಂ.

ರೋಹನ್-ರೂಬಿ-ವಿಜಯ್!!

ತ್ರಿಕೋನ್ ಪ್ರೇಮ್ ಕಥಾ!!

ಯಶ್ ಚೋಪ್ರಾಚ್ಯಾ ಹಿಂದಿ ಪಿಂತುರಾ ಥಾವ್ನ್ ಶೀದಾ ಉಬಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆ ತಸಲೆಂ ಸನ್ನಿವೇಶ್ ಉಬೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಹ್ಯಾ ತ್ರಿಕೋನಾಚೆಂ ಏಕ್ ಭುಜ್ ನಿಸ್ರಾಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ!!

ವಿಜಯ್ ವಾಟೆ ವಯ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ!!

"ರೂಬಿಚ್ಯಾ ಗುಲೊಬಿ ಪೊಡ್ತಾಂತ್ಲೊ ಕಾಂಟೊ ಹಾಂವ್ ಮೂಳಾ ಥಾವ್ನ್ ಹುಮ್ಬುನ್ ಕಾಡ್ತಲೊ" ರೋಹನಾನ್ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲ್ಲೊ!!

ವಿಜಯ್, ತುಜ್ಯಾ ಸೊಭಾಯೆಚೆರ್ ತುಕಾ ಅಹಂಕಾರ್ ಆಸಾ. ತಿಚ್ಚ್ ಹಾಂವ್ ನಾಸ್ ಕರ್ತಾಲೊಂ.

ತುಜೆಚ್ಚ್ ಕಾತಿಚೆರ್ ತುಂ ಕಾಂತಳ್ತೊಲೊಯ್!!

ರೋಹನ್ ಘಾರಿಕ್ಷಣಾಕ್ ಅಶೆಲೊ.

ವಿಜಯಾಕ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಶೆವ್ಟಾಂಚೊಚ್ಚ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಚೊ ಉದ್ದೇಶ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಎಕಾ ಅಯಿನ್ಸ್ಸ್ ಘಡಿಯೆಕ್ ತೊ ರಾಕೊನ್ ರಾವ್ಲೊ. ಫೆಬ್ರವರಿ 4 ತಾರಿಕ್ 1 ವೊರಾಂ ದನ್ಪಾರಾಂ 1:07 ಮಿನುಟಾಂ... ರಸಾಯನಿಕ್ ಶಾಸ್ತ್ರಾಚೊ ಪ್ರಾಧ್ಯಾಪಕ್ ಜಯಂತ್ ತಾಂತ್ರಿಕ್ ಸೊಧುನ್ ರೋಹನ್ ರಾಸಾಯನಿಕ್ ಪ್ರಯೋಗಾಲಯಾಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೊ. ರೋಹನಾಕ್ ಹ್ಯಾ ವಿಭಾಗಾಂತ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಆಸಕ್ತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಶಿಕ್ಪಾಂತ್ ಸಾಮಾನ್ಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ತಾಕಾ ಅಖ್ರೇಚ್ಯಾ ಘಡಿಯೆ ಆಪ್ಲೊ ದುಬಾವ್ ಪರಿಹಾರ್ ಕರ್ಚೆ ಸವಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಆನಿ ಅಸಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ತಂತ್ರಿನ್ ಕುಮ್ಕೆಚೊ ಹಾತ್ ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿಂಕ್ ನೆಗಾರ್ ಕರಿನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಹುಶಾರ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೊ ಪಸಂದೆಚೊ ಮೆಸ್ತ್ರೀ!

ಅರ್ಧ್ಯಾ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಆವ್ಟೆ ಭಿತರ್ ನಕಲಿ *(Mock)* ಪರೀಕ್ಷಾಘೆತಾಲೊ.

ದೋನ್ ವೊರಾರ್ 'ಎಸಿಡ್ ನ್ಯೂಟ್ರಲೈಸೇಶನ್' ಹಾಚೆಂ ಪ್ರಯೋಗ್ ಆಸಾ ಕೆಲ್ಲೊ!

ಥಂಯ್ಸರ್ ಘೊ। ತಂತ್ರಿ ಹಾಜಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ತಯಾರಾಯ್ ಕರ್ನ್ *Lab attender* ಭಾಯ್ರ್ ವೆತಾನಾ ತಂತ್ರಿ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಗೆಲ್ಲೆ ವಿಶಿಂ ಕಳಯಿಲ್ಲೆಂ.

ಎಟೆಂಡರಾನ್ ಪುರ್ತಿಂ 30 ಮೇಜಾಂ ಮಾಂಡುನ್ ದವರ್ಲ್ಲಿಂ.

ಹರ್ಯೆಕಾ ಮೆಜಾಕ್ ಎಕಾಮೆಕಾ ಥಾವ್ನ್ ಚಾರ್ ಘುಟಿಂಚೊ ಅಂತರ್ ದವರ್ಲ್ಲೊ.

ಲ್ಹಾನ್ ಮೇಜ್ ಧವ್ಯಾ ಲುಗ್ಟಾನ್ ಧಾಂಪ್ಲ್ಲೆಂ.

ತಾಚೆ ವಯ್ರ್ ಸ್ಥಿರ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಜಡಾಯೆಚೆಂ ಲೊಂಕ್ಡಾಚೆಂ ಸ್ಟೇಂಡ್. ತಾಕಾ ಶಿರ್ಕಾವ್ನ್ *0-100 ML* ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಖಾಂಚಿಚೆಂ 'ಬ್ಯೂರೆಟ್' ಚಿಮ್ಟ್ಯಾಂತ್ ಶಿರ್ಕಾಯಿಲ್ಲೆಂ.

ಬ್ಯೂರೆಟಾಚ್ಯಾ ನಳಿಯೆ ಬರಿಂ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಮೂಳಾಂತ್ ಉಗ್ತೆಂ ಬಂಧ್ ಕರ್ಚೆ ನಳಾ ತಸಲಿ ಮಾಂಡಾವಳ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ಹಾಕಾ 'ಸ್ಟೊಪರ್' ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

ಬ್ಯೂರೆಟಾ ಮುಳಾಂತ್ 'ಬೀಕರ್' ದವರ್ಲ್ಲೆಂ.

ರೋಹನಾನ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಶಾಲಾಚ್ಯಾ ಮಾಂಡವಳೆಚೊ ವಿಮರ್ಶೊ ಕೆಲೊ.

ಹರ್ಯೆಕಾ ಮೆಜಾರ್ ನಂಬರ್ ಬರಯಿಲ್ಲೊ ಏಕ್ ಥಾವ್ನ್ ತೀಸ್ ಪರ್ಯಾಂತ್!

ಮುಳಾಂತ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿಂಚಿ ನಾಂವಾಯಿ ಬರಯಿಲ್ಲಿಂ.

ಟೇಬಲ್ ನಂ. 13...

ವಿಜಯ್ ಮತಾಯಸ್!!

ಮುಖಾರ್ ಉಗ್ತೆಂ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಸೆಲ್ಫಾಚೆರ್ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಖಾಂಚಿಚ್ಯಾ ಬೊತ್ಲೆಚೆರ್ ತಾಚಿ ನದರ್ ಗೆಲಿ.

H_2SO_4 - *98%* ಸಲ್ಫ್ಯೂರಿಕ್ ಎಸಿಡ್ ಅತೀ ಶುದ್ಧ್!!

ತಂತ್ರಿನ್ ದಾಂಬೂನ್ ಸಾಂಗ್ಲ್ಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ತಾಕಾ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಜಾಲಿಂ. ಚತ್ರಾಯ್! ಚತ್ರಾಯ್! ಚತ್ರಾಯ್!

"ಶುದ್ಧ್ ಎಸಿಡ್ ಭೋವ್ ಮಾರೆಕಾರ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಮನ್ಶಾಚೆಂ ಚಾಮ್ಡೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಹಾಡಾಂ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಕರ್ಗೊಂಕ್ ಸಕ್ತಾ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಪಾತಳ್ ಕರ್ತಾನಾ ಕೆದಿಂಚ್ ತಾಕಾ ಉದಾಕ್ ಭರ್ಶಿ ನಾಕಾ. ಏಕ್ ಥೆಂಬೊ ಉದಾಕ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ವ್ಹಡ್ ಅವ್ಘಾತ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ತಾ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಉದ್ಕಾಕ್ ಅಸಿಡ್ ಭರ್ಸುನ್ ತಾಕಾ ದುರ್ಬಳ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್. ಹಿ ಚೂಕ್ ಸಬಾರ್ ಜಣ್ ಕರ್ನ್ ಅನಾಹುತಾಂಕ್ ಬಲಿ ಜಾಲ್ಯಾತ್".

ವಿಜಯಾಕ್ ಬೂದ್ ಶಿಕಂವ್ಕ್ ಉಪಾಯ್ ಜಳ್ಕಾಲ್ಲೊ.

ಸುತ್ತುರಾಂತ್ ಕೊಣಾಚೆಚ್ ಜಳಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿ.

ಘಡಿಯೆಂಚ್ ತೊ ಕಾರ್ಯರೂಪಾಕ್ ದೆಂವ್ಲೊ.

ಚತ್ರಾಯೆನ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾಬರಿಂ ಎಸಿಡ್ ತಾಣೆಂ ಎಕಾ ನಿತಳ್ ಬೀಕರಾಂತ್ ದೆಂವಯ್ಲೊ.

ಬ್ಯೂರೆಟಾಂತ್ಲೆಂ ದ್ರವ್ ಉಡವ್ನ್ ತಾಂತುನ್ ಉದಾಕ್ ಭರ್ಲೆಂ. ಟೇಬಲ್ ನಂ. 13 ಆತಾಂ ಆಯ್ತೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ವಿಜಯ್‌ಚ್ಯಾ ಹಾತಾ ಥಾವ್ನ್ ಎಕ್‌ಚ್ಚ್ ಏಕ್ ಥೆಂಬೊ ಉದಾಕ್ ಬ್ಯೂರೆಟಾ ಥಾವ್ನ್ ಭೀಕರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಎಸಿಡಾಕ್ ದೆಂವ್ತಾಲೆಂ. ಆನಿ ತಾಚೆಂ ಮುಖಾಮಳ್ ಇತ್ಲೆಂ ವಿದ್ರೂಪ್ ಜಾತಾಲೆಂಕೀ ಕೊಣ್‌ಚ್ಚ್ ತಾಕಾ ಒಳ್ಕೊಂಕ್ ಸಕ್ಚೆನಾಂತ್.

'Perfect' ಮ್ಹಣ್ ರೋಹನ್ ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ನಿಕಳ್ಳೊ.

ತಾಕಾ ಆತಾಂ ತಂತ್ರಿ ಲಾಗಿಂ ಕಸಲಿಂಚ್ ಸವಾಲಾಂ ನಾತ್ಲಿಂ! ವೊರಾಂ ದನ್ಪಾರಾಚಿಂ 02:02 ಮಿನುಟಾಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ.

ನಿಗದಿತ್ ವೇಳ್ ಲಾಗಿಂ ಸರ್‌ಲ್ಲೊ.

ಸರ್ವ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮೆಜಾ ಮುಕಾರ್ ಉಬಿಂ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಸರ್ವಾಂಚೆಂ ರೆಕೊರ್ಡ್ ಬೂಕ್ ತಂತ್ರಿನ್ ಜಮೊ ಕೆಲ್ಲೊ!!

ರೂಬಿನ್ ಟೇಬಲ್ ನಂ. 19 ಥಾವ್ನ್ ರೋಹನಾಕ್ ಹಾತ್ ಕೆಲೊ. ತಾಚ್ಯಾ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಮುಗ್ಧ ಹಾಸ್ಯಾನ್ ತಾಕಾ ಆಕರ್ಷಣ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ!!

ರೋಹನ್ ರೇಗೊ! ಟೇಬಲ್ ನಂ. 7!!

ವಿಜಯ್ ಮತಾಯಸ್! ಟೇಬಲ್ ನಂ. 13!!

ವೊರಾಂ 02:05 ಜಾಲಿಂ...

ವಿಜಯ್ ಎದೊಳ್ ಹಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ!!

ಘಡಿಯೆಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ತಂತ್ರಿಚೆ ದೊಳೆ ವೊಚಾಚೆರ್ ಚರ್‍ತಾತೆ. ವಿಜಯ್ ಎದೊಳ್ ಪಾವೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

02:07 ವೊರಾರ್ ಎಟೆಂಡರ್ ದಾರಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲೊ. ಎಟೆಂಡರಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಚೀಟಿ ವಯ್ಲೊ ಸಂದೇಶ್ ವಾಚುನ್ ಫೊ। ತಂತ್ರಿನ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿಂಕ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಮುಂದರುಂಕ್ ಉಲೊ ದಿಲೊ.

ಪ್ರಿನ್ಸಿಪಾಲಾಚ್ಯಾ ಕೆಬಿನಾ ಥಾವ್ನ್ ವಿಜಯಾಚ್ಯಾ ಗೈರ್ ಹಾಜ್ರೆ ವಿಶಿಂ ಸಂದೇಶ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಕಳಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಪ್ರಯೋಗ್‌ಶಾಲಾಂತ್ ಪುಸ್ಪುಸ್ಯಾಂಚೊ ಆವಾಜ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ....

ಫೊ। ತಂತ್ರಿನ್ ಏಕಾ ಕೊನ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಅನ್ಯೆಕಾ ಪೊಂತಾಕ್ ಪಾಸಾಯೊ ಮಾರ್ತಾನಾ ತಾಚ್ಯಾ ಮೊಚ್ಯಾಂಚೊ ಆವಾಜ್ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಖಾಂಚೆಚೆ ಬೀಕರ್ ಏಕಾಮೆಕಾಕ್ ಅದ್ಳೊಂಚೆಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಲೆಂ.

ವಿವಿಧ್ ರಾಸಾಯನಿಕಾಂಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ನಾಕಾಚಿಂ ಫುಡಾಂ ಫುಲಾಯ್ತಾತ್ ತಶೆಂ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ. ಅಸಲ್ಯಾ ವಾತಾವರಣಾಂತ್ ಧವೊಚ್ಚ್ 'ಎಫ್ರೊನ್' ನೆಸೊನ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿ ಆಪ್ಣಾಕ್‌ಚ್ ಏಕಾ ವಿಜ್ಞಾನಿಚ್ಯಾ ಸ್ಥಾನಾರ್ ದೆಖ್ತಾಲೆ.

'ಟಕ್' ಟೇಬಲ್ ನಂ 19 ಥಾವ್ನ್ ಏಕ್ ಆವಾಜ್ ಉಬ್ಜಾಲೊ. ರೂಬಿಚ್ಯಾ ಬ್ಯೂರೆಟಾಚೆಂ ಸ್ಟೊಪರ್ ಮೊಡ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಬ್ಯೂರೆಟಾಂತ್ಲೆಂ ರಸಾಯನಿಕ್ ಸರ್ವ್ ಮೆಜಾರ್ ಶಿಂಪ್ಡಾಲೆಂ. ರೂಬಿಚೊ ಪ್ರಯೋಗ್ ಅರ್ಧ್ಯಾರ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೊ.

ತಾಚೆ ದೊಳೆ ಅಸಹಾಯಕತೆಂತ್ ಮಳ್ಬ್ಯಾಬರಿಂ ಫೊ॥ ತಂತ್ರಿಚೆರ್ ಚರ್ಲೆ. ಎಟೆಂಡರ್ ಜಾಗೊ ಸಾಫ್ ಕರ್ಚೆ ಖಾತಿರ್ ಮುಕಾರ್ ಸರ್ಲೊ.

'O.K.Next class' ಘೊ। ತಂತ್ರಿನ್ ರೂಬಿಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ವಚ್ಚೆತ್ ಮ್ಹಣ್ ಉಲೊ ಕೆಲೊ.

ರೂಬಿನ್ ಮೆಜಾ ವಯ್ಲೊ ರೆಕಾರ್ಡ್ ಬೂಕ್ ಆರಾವ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ಟೇಬಲ್ ನಂ. 7 ತೆಣೆಂ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾನಾ ರೋಹನಾಚ್ಯಾ ಕುಲ್ಯಾಂಕ್ ಧಾಪುಡ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ ಭಾಯ್ರ್ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ. ಪಾಟಿಂ ಗುಂವೊನ್ ಪಳೆಲ್ಲ್ಯಾ ರೋಹನಾಕ್ ಪೊಕ್ರಿ ಹಾಸೊ ದೀವ್ನ್ ಉಜ್ವೊ ದೊಳೊ ಮೊಡುನ್ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡ್ತಾನಾ ಕೊಣೆಂಚ್ ಗಮನ್ ದಿಲೆಂ ನಾಂ.

ಹಲ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ರೂಬಿ ಥಂಯ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ರೋಹನಾ ಥಂಯ್ ತಾಕಾ ಹುಸ್ಕೊ ಆಸಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ತಾಚ್ಯಾ ನಡ್ತ್ಯಾಂತ್ ಕಳಿತ್ ಜಾತಾಲೆಂ.

ಅವ್ಕಾಸ್ ಮೆಳ್ಲ್ಯಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಉಲಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾಲೆಂ. ಕ್ಲಾಸ್ ರೂಮಾಂತ್ ತವಳ್ ತವಳ್ ರೋಹನಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಗುಂವೊನ್ ಪಳೆತಾಲೆಂ.

ಬಹುಶಾ ಹ್ಯಾ ಬದ್ಲಾವಣೆಕ್ ಕಾರಣ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ರೋಹನ್ ತಾಚೆ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ರಾವೊಂಕ್ ಪಳೆತಾ ತಿತ್ಲೆಂ ತೆಂ ತಾಕಾ ಲಾಗಿಂ ಜಾತಾಲೆಂ.

ರೋಹನಾನ್ ರೂಬಿಕ್ ಪ್ರಾಮುಖ್ಯತಾ ದಿಂವ್ಚಿ ರಾವಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ರೂಬಿಚ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಂತ್ ಎಕಾ ರಿತಿಚಿ ಪೊಕೊಳಾಯ್ ಉಬ್ಜಲ್ಲಿ.

ದೀಸ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಪಾಟಿಂ ಪರ್ತಾತಾಲೆ.

ಟೆನಿಸ್ ಕೋರ್ಟಾಚೆಂ ವಾತಾವರಣ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಉಬ್ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಟೆನಿಸ್ ಎಲ್ಲೊಚಿ ದೂಖ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಂವ್ಚೆ ದೀಸ್ ಲಾಗಿಂ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಖಂಚ್ಯಾಯ್ ರಿತಿರ್ ರೋಹನ್ ರೂಬಿಕ್ ಆಪ್ಲಾಚೆಂ ಕರ್ನ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ಮುಕಾರ್ ಸರ್‌ಲ್ಲೊ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹರ್ಯೆಕಾ ಸಾಕ್ರಿಫಿಸಾಕ್ ತೊ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲೊ!

ರೂಬಿಚ್ಯಾ ಸೊಭಾಯೆನ್‌ತಾಕಾ ಸಂಪುರ್ಣ್ ಕಾಳ್ಕಾಂತ್ ಲೊಟ್‌ಲ್ಲೊ. *'Stop* ಏಕ್ ಮಿನುಟ್' ಬಾಗ್ಲಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಪಡ್ಚ್ಯಾ ರೂಬಿಕ್ ಘೊ। ತಂತ್ರಿನ್ ಪಾಟಿಂ ಅಪಯಿಲ್ಲೆಂ

ಟೇಬಲ್ ನಂ. 13!

ಖಾಲಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಟೇಬಲಾ ತೆವ್ಶಿಂ ತಾಣೆಂ ರೂಬಿಕ್ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲ್ಲೊ.

ವಿಜಯ್ ಮತಾಯಸಾಚಿ ಗೈರ್ ಹಾಜ್ರಿ ತಾಕಾ ಗಳಾಯೆನ್ ಚತ್ರಾಯ್ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಟೇಬಲ್ ನಂ. 13!

ರೋಹನಾಚೆ ದೊಳೆ ಆನಿ ತೋಂಡ್ ಉಗ್ತೆಂಚ್ ಉರ್ಲೆಂ.

ಆನಿ ತ್ಯಾ ಅಯಿನ್ನ್ ಘಡಿಯೆಕ್...

'ಭುಮ್ಮ್' ಏಕ್ ವ್ಹಡ್ ಅವಾಜ್!!

ಆನಿ ತಾಚೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಕಾರಂಜಿ ಬರಿಂ ಪಾಕ್ಯಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಉಸಳ್ಚೆಂ ಸಳ್ಳಳೆಂ ದ್ರಾವ್.. ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ಭಂವ್ತಿಂ ಪಾಸಾರುನ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ಧವಿ ಧುಂವ್ರಿ... ಆನಿ ತಾಚೆ ಮಧೆಗಾತ್ ಕಾನಾಂಕ್ ಕೊಂಕ್ಯಾ ತಸಲಿ ಕಿಂಕ್ರಾಟ್... ಆನಿ ತಾಚೆ ಮಧೆಂ ಧರ್ಣಿರ್ ಕೊಸ್ಳೊನ್ ಪಡ್ಚೆಂ ರೂಬಿ... ಸಂಗಿಂಚ್ ಮೆಣಾಂ ಬರಿಂ ಕರ್ಗೊನ್ ವೆಚೆಂ ತೆಂ ಸೊಭಿತ್ ಮುಖಾಮಳ್!!

ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಳೊಕ್ ಯೇವ್ನ್ ಧರ್ಣಿರ್ ಶೆವ್ಟಾಂವ್ಚೆ ಪಯ್ಲೆಂ ಕಿಂಕ್ರಾಟೊ ಮಾರುನ್ ಧಾಂವ್ಲ್ಯಾ ಜಮ್ಯಾ ಮಧೆಂ ತಿ ರೋಹನಾಚಿ ಧಾಂವ್ಣಿ!!

ಅಕ್ಲಾಸ್! ಚುರ್ಚುರೆ! ಆನಿ ಪಶ್ಚಾತ್ತಾಪಾ ಸವೆಂ ಉದೆಲ್ಲಿಂ ತಿಂ ಜವಾಬ್ ನಾತ್‍ಲ್ಲಿಂ ಸವಾಲಾಂ.

ವಿಜಯ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಹಾಜರ್ ಜಾಲ್ಲೊ ತರ್?

ರೂಬಿಚೆಂ ಬ್ಯೂರೆಟಾಚೆಂ ಸ್ಟೊಪರ್ ಮೊಡಾನಾತ್‍ಲ್ಲೆಂ ತರ್?

ಫ್ರೊ ತಂತ್ರಿ ರೂಬಿಕ್ ಪಾಟಿಂ ಆಪಂವ್ಕ್ ವಿಸ್ರಾಲ್ಲೊ ತರ್?

ಶುದ್ಧ್ ಎಸಿಡ್ ಹಾವೆಂ ಬರಿನಾತ್‍ಲ್ಲೆಂ ತರ್!?

ಜವಾಬ್ ಆಶೆಲೊ ತೊ!!

ಜಡಾಯೆಚ್ಯಾ ಮೆಟಾಂನಿಂ ರೋಹನ್ ಘರಾ ಪಾವ್‍ಲ್ಲೊ!

ಮೆಜಾರ್ ತಾಚ್ಯಾ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ತಪ್ಪಾಲಾಚೆಂ ಪತ್ರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆಂ.

ಫೆಬ್ರೆರ್ 1 ತಾರಿಕ್ 1987

ಸಾಂಜೆಚಿಂ 5 ವೊರಾಂ

ಮೊಗಾಳ್ ರೋಹನ್,

ಆಜ್ ಹಾಂವ್ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವ್ತಾಂ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಚಿಂ 18 ವರ್ಸಾಂ ಸಂಪ್ತಾತ್.

ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿರ್ ತುಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಾಳ್ಜಾ ಆನಿ ಮನಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಮೋಗ್ ಕರ್ತಾಯ್‍ಗೀ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಮಾಫಾನ್ ಹಾಂವ್‍ಯಿ ತುಕಾ ಪಸಂದ್ ಕರ್ತಾಂ.

ಕುಡಿಚ್ಯಾ ಸೊಭಾಯೆ ವಿಶಿಂ ಸಾಂಗ್ತೆಂ ತರ್ ತುಂ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತ್ಲೊ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚೊಗೀ ತಿತ್ಲೊಚ್ಚ್ ಭಾಯ್ಲೊ ರಂಗ್ ಸುಂದರ್!!

ಸೊಭಾಯ್, ಅಂತಸ್ತ್ ಯಾ ಕಸಲಿಂಯ್ ಸನ್ನಿವೇಶಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ ವಿಂಗಡ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ಚಿಂನಾಂತ್.

ವಿಜಯ್, ಫಕತ್ತ್ ಏಕ್ ಬರೊ ಮಿತ್ರ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

4 ತಾರಿಕೆರ್ ಸಾಂಜೆರ್ 5 ವೊರಾಂಚೆರ್ 'ಕೆಮಿಸ್ಟ್ರಿ ಲ್ಯಾಬ್' ಉಪ್ರಾಂತ್ *'Out Doors'* ಕ್ರೀಮ್ ಪಾರ್ಲರಾಂತ್ ಮೆಳ್ಯಾಂ.

ತುಜೆ ಥಂಯ್ ಅಧಿಕ್ ಮೊಗಾಚೆಂ

ರೂಬಿ!!

ಫೆಬ್ರೆರ್ 5 ತಾರಿಕ್....

ಆಸ್ಪತ್ರೆಂತ್ ರೂಬಿ ವಿದ್ರೂಪ್ ಸ್ಥಿತೆರ್ ನಿದೊನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆ.

ಸರ್ವ್ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿ, ಮೆಸ್ತ್ರೀ, ಸೆಜಾರ್ಚಿಂ ಆನಿ ಸರ್ವ್ ಭೆಟ್‍ಲ್ಲಿಂ!!

ಕರ್ಗೊನ್ ಗೆಲ್ಲೆ ದೊಳೆ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ರೋಹನಾಕ್ ಸೊಧ್ತಾಲೆ... ಫೆಬ್ರೆರ್ 5 ತಾರಿಕ್ 1987 ಸಂಪ್‍ಲ್ಲಿ... ತೊ ಆಯ್ಲೊ ನಾಂ!! ಆನಿ ಫೆಬ್ರೆರ್ 5 ತಾರಿಕ್ 1988... 89...–90... ತೊ ದಿಸ್ಲೊ ನಾಂ!!

ರೂಬಿನ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಸೊಭಾಯ್ ಹೊಗ್ಡಾಯಿಲ್ಲಿ....

ಆನಿ ರೋಹನಾನ್ ಆಪ್ಲೊ ರಂಗ್ ಬದ್ಲಿಲ್ಲೊ!!

*** – ***

ಉದೆಂತಿಚೆಂ ಮೋಡ್

ಮಹಾಬಲಿ ಶೆಟ್ಟಿಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ದಿಗಂತಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ದಾವ್ಯಾ ಹಾತಾಚ್ಯಾ ರೊಲೆಕ್ಸ್ ವೊಚಾಚೆರ್ ತಾಣೆಂ ಅಭಿಮಾನಾನ್ ದೀಷ್ಟ್ ಚರಯ್ಲಿ.

ಸಾಕಾಳಿಂಚಿಂ 7:09 ವೊರಾಂ ದಾಖಯ್ತಾಲಿಂ.

ನಿತಳ್ ಧವೊ ಮುಂಡು ಉಬಾರುನ್ ಬಾಂದ್ಲೊ ತಾಣೆಂ. ನಿತಳ್ ಧವ್ಯಾ ರಂಗಾಚ್ಯಾ ಕುರ್ತಾಚೆ ಬುತಾಂವ್ ಉಗ್ತೆ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಹರ್ಧ್ಯಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳ್ಯಾ ಮಿಶ್ರಿತ್ ಧವ್ಯಾ ಲೊಂವೆ ಮಧೆಂ ಲಗ್ಗ್ ಧಾ ತೊಲ್ಯಾಂಚಿ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಚೇಯ್ನ್ ಉಮ್ಕಾಳ್ತಾಲಿ. ಉಜ್ವ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ರೆವ್ಡಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ದಾಟ್ ಬ್ರಾಸ್ಲೆಟಾಕ್ ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಹಾಲವ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಪರಿಂ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಆಕಾಸಾಚೆರ್ ಗಂಭೀರಾಯೆನ್ ದೀಷ್ಟ್ ಚರಯ್ಲಿ.

ಬೊಡ್ಗ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ತೆನ್ಕಾ ಪರ್ಯಾಂತ್.

ಉದೆಂತಿ ಥಾವ್ನ್ ಅಸ್ತಮ್ತೆ ಪರ್ಯಾಂತ್.

ಮಳ್ಬಾರ್ ಕಾಳೊಕ್‌ಚ್ ಕಾಳೊಕ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ:

ಬಡ್ಗ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ವಾರೆಂ ತೆನ್ಕಾ ತೆವ್ಳಿಂ ವಳ್ತಾಲೆಂ

"ಮುಡ್ಲಾ ತೆವ್ಳಿಂ ಆವ್ ಜಾಲಾಂ" ಮನಾಂತ್‌ಚ್ ಚಿಂತುನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದಾಟ್ ಮಿಶ್ಯಾಂಚೆರ್ ಬೊಟಾಂ ಚರಯ್ಲಿಂ.

ಮಹಾಬಲ ಪ್ರಕಾಶ್ ಶೆಟ್ಟಿ!!

ದಡಂಗ್ ಜಿವಾಚೊ ರೌಡಿಚೊ ಜಿನೊಸ್ ತರೀ ತೊ ರೌಡಿ ನಹಿಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

'ರೊಲೆಕ್ಸ್' ವಾಚ್ ಆನಿ ಭಾಂಗಾರ್ ತಾಚಿ ಆಸಕ್ತ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿ ತರೀ ತೊ ಗಲ್ಫಾಚೊ ವಾ ಉದ್ಯಮಿ ನಹಿಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಮಾಜಿ ಸೊಜೆರ್ ಆನಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕೃಷಿಕ್!

'ಜೈ ಜವಾನ್, ಜೈ ಕಿಸಾನ್!'

ದೇಶಾಚ್ಯಾ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಪ್ರಧಾನಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಲಾಲ್ ಬಹದೂರ್ ಶಾಸ್ತ್ರಿನ್ ದಿಲ್ಲೊ ಸಂದೇಶ್ ಆಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ದೇಶಾಚಾ ಭದ್ರತಿಚೆ ಮೂಳ್ ಖಾಂಬೆ.

ಎಕಾ ನಾಣ್ಯಾಚಿಂ ದೋನ್ ಮುಖಾಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆ ಬರಿಂ.

ಏಕ್ ರಕ್ಷಣೆಕ್ ತರ್ ಆನ್ಯೆಕ್ ಭಕ್ಷಣೆಕ್!!

ಆನಿ ಹ್ಯಾ ದೋನ್ ಮಹಾನ್ ವರ್ಗಾಂತ್ ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿಚೊ ಬರಾಬರ್ ಪಾತ್ರ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಉಲ್ಲೇಖ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ತಸಲೆಂ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್ ತಾಚೆಂ!!

ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ತಾಣೆಂ ಮಿಲಿಟರಿ ಸೆವಾ ದಿಲ್ಲಿ.

ಶಾಂತೆಚೊ ಕಾಳ್ ತೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್‌ನ್ ಪಾಕಿಸ್ತಾನಾ ಸಂಗಿಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ದೋನ್ ಆನಿ ಚೀನಾ

ಸಂಗಿಂಚಾ ಎಕಾ ಝುಜಾಂತ್ ತಾಚೊ ಪಾತ್ರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ಪುಣ್ ಗಡಿ ರಕ್ಷಣಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಬಂಕರಾಂ ನಿರ್ಮಾಣಾಂತ್ ತೊ ವಾವುರ್‌ಲ್ಲೊ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ಒರಿಸ್ಸಾಂತ್ ಆನಿ ಆಂಧ್ರಾಂತ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ನೈಸರ್ಗಿಕ್ ದುರಂತಾ ಥಾವ್ನ್ ಸಬಾರ್ ಲೊಕಾಂಕ್ ವಾಂಚಯಿಲ್ಲೆಂ. ಅಸಲ್ಯಾ ಕಾಮಾಂನಿ ಸರ್ಕಾರಾ ಥಾವ್ನ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲಿಂ ಮೆಡ್ಲಾಂ ಆನಿ ಪದಕಾಂ ಅಲ್ಮಾರಿನಿಂ ಸಜಾಯಿಲ್ಲಿಂ ಸಾಕ್ಸ್ ದಿತಾಲಿಂ.

ಹಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂನಿ ಜಾಯ್ತಿ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ಮಣಿಪಾಲಾಚ್ಯಾ ಸುತ್ತುರಾಂತ್ ಸರ್ಕಾರಾನ್ ತಾಕಾ ನಿವೃತ್ತೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಭುಂಯಾ ದಿಲ್ಲಿ. ನಿರ್ಜನ್ ರಾನ್ ಗುಡೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮಣಿಪಾಲಾಂತ್ ಮನ್ಶ್ಯಾ ವಸ್ತೆಕ್ ಯೋಗ್ಯ್ ನಹಿಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿನ್ ಭುಂಯ್ ಉರ್ಜಿತ್ ಕರ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್ ಕಮಾರ್ ಭಾಂದ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ದೇಶಾಚೆಂ ವಿದ್ಯಾ ಕೇಂದ್ರ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಪ್ರದೇಶಾ ಮಧೆಂ ಮಳ್ಳ್ಯಾ ಬರಿಂ ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿಚೆಂ ತೀಸ್ ಎಕ್ರ್ಯಾ ಸುವಾತೆರ್ 'ಕೈಲಾಸ' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ನಾಂವಾರ್ ಎಸ್ಟೇಟ್ ಉಬೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಭಾಂಗಾರಾ ಸಾಕ್ರ್ಯಾ ಮೊಲಾಚ್ಯಾ ವಿದ್ಯಾನಗರಿಚ್ಯಾ ಮಧೆಂ ವಜ್ರಾಚೆಂ ಥಿಕ್ ಬಸಯಿಲ್ಲ್ಯಾಬರಿಂ!

ಸ್ವ ಮಿನತೆನ್ ಬಾಂಧುನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೆಂ 'ಕೈಲಾಸ!'

ಹ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತೊ ಸತ್ರಾ ಮೈಲಾಂ ಸದಾಂಚ್ ಸೈಕಲ್ ಚಲವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ.

ಲ್ಹಾನ್ ಉದ್ಕಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಳಾ ಥಾವ್ನ್ ಖಾಸ್ಗಿ ಅಣೆಕಟ್ಟ್ ರಚ್‌ಲ್ಲೆಂ. ದೋನ್ ಒಕ್ಲಾಂಚಿಂ ಘರಾಂ ನಿರ್ಮಾಣ್ ಕೆಲ್ಲಿಂ. ಎಕ್ ಸರ್ವ್ ಸವ್ಲಾತಾಯೆ ಸವೆಂ 'ಫಾರ್ಮ್ ಹೌಸ್' ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಅಂತರ್ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ ಮಟ್ಟಾಚೊ ಕೃಷೆಚೊ ಸುಫಳ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಪ್ಲಮ್, ಪೀಚ್, ರಂಬೊಟ್ಟ ಆನಿ ಪೇರಾಂ ತಸಲ್ಯೊ ವಿದೇಶಿ ಫಳ್ ವಸ್ತು ಸ್ಥಳೀಯ್ ಉತ್ಪನ್ನಾಂನಿ ಬದ್ಲಾಲ್ಲ್ಯೊ.

ಕೃಷಿ ಉತ್ಪನ್ನಾಂತ್ ನವೀಕರಣಾ ಖಾತಿರ್ ರಾಜ್ಯ ಮಟ್ಟಾಚಿ ಪ್ರಶಸ್ತಿ ಆಪ್ಣಾಯಿಲ್ಲಿ.

ಉತ್ಪಾದಕಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಘಚೊ ಮುಖೆಲಿ ಜಾವ್ನ್ ವಿಂಚುನ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ. ವಿವಿಧ್ ಸೆಮಿನಾರ್ ತಾಣಿಂ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ದಿಸಾಳ್ಯಾನಿಂ ಕೃಷಿಕ್ ಸಂಘಟನಾಚೊ ನಾಯಕ್ ಮ್ಹಣ್ ವಾಚುಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಲೆಂ.

ಅಲ್ಮಾರೆಚ್ಯಾ ಅನ್ಯೆಕಾ ಭಾಗಾಂತ್ ತಾಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸಾಧನಾಂನಿ ಮೆಡ್ಲಾಂ ಆನಿ ಪದಕಾಂ ಭರೊನ್ ಗೆಲ್ಲಿ.

ಸಲ್ವಣಿ ಮಳ್ಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತೊ ನೆಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ!!

"ರವೀ..." ಪುತಾಕ್ ತಾಣೆಂ ವ್ಹಡಾ ಅವಾಜಾನ್ ಉಲೊ ಮಾರ್ಲೊ.

'ಹಾಂಗಾ ಯೇ' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿಂ ಹಾತಾನ್ ತಾಕಾ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲೊ.

ಚ್ಹಾಯೆಚೆಂ ಕೋಪ್ ಘೆವ್ನ್ ಘಡಿಯೆಂಚ್ ರವಿ ಬಾಪಯ್ ಸಮ್ಕಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

"ಉದೆಂತಿನ್ ಭೋವ್ ದಾಟ್ ಮೊಡ್ ಜಾಲಾ. ಮುಡ್ಲಾಂತ್ ಪಾವ್ಸ್ ಧಾರಾಳ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ನ್ಹಂಯ್ಂತ್ಲೆಂ ಉದಾಕ್ ಮಾತಿಯೆ ರಂಗಾಕ್ ಬದ್ಲಾಲಾ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಉದ್ಕಾಚೆಂ ಮಟ್ಟ್ ಫಕತ್ ಏಕ್ ಫುಟ್ ಮಾತ್ರ್ ಉರ್ಲಾ ಅವ್ರಾಚ್ಯಾ ರುಪಾಕ್ ಬದ್ಲುಂಕ್.

ಬಯ್ಲಾಚೊ ಗಾದೊ ಆನಿ ಬೆಟಾಚೊ ರೊಂಪಿಯೆಕ್ ಆಜ್ ತಯಾರಾಯ್ ಕೆಲಾಯ್. ನೇಜ್ ನ್ಹಂಯ್ ಪಲ್ತಾಡಿಚ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಆಸಾ. ಹೊ ವೇಳ್ ಸುಕ್ತೆಚೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಆನಿ ಭರ್ತಿ ಯೆತಾನಾ ನೇಜ್ ಅವ್ರಾಚ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಂತ್ ವ್ಹಾಳೊನ್ ವೆಚೆಂ ತಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ". ಮೊಳ್ಯಾ ತೆವ್ಳಿಂ ಹಾತ್ ಉಬಾರುನ್ ಹವಾಮಾನಾಚಿ ವರ್ದಿ ಪುತಾ ಮುಖಾರ್ ಸೊಡವ್ನ್ ತಾಣೆಂ ಪಾಟ್ ಕೆಲಿ.

ಪಾಟ್ ಕರ್ನ್ ವೆಚ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ರವಿ ಎಕಾ ಘಡಿಯೆಕ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಪಡ್ಲೊ. ಬಳಿಷ್ಠ್ ಬಾವ್ಳೆ ಹಾವೆಂ ಅಸ್ಕತ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್‌ಗೀ? ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾ ದಿಸಾ ಆದಿಂ...

ಸಾಂಜೆಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಸಾಲಾಂತ್ ಸಂವಾದ್ ಹರ್ಶೆಂಚೊ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಪುಣ್‌ತ್ಯಾ ದಿಸಾಚೊ ತರ್ಕಾಂತ್ ಅಂತ್ಯ್ ಜಾಲ್ಲೊ!

ಬಹುಶಾ ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿಚ್ಯಾ ಮಿಲಿಟ್ರಿ ರಮ್ಮಾಚೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಆನಿ ಫಾರ್ಮ್ ಹೌಸಾಚ್ಯಾ ದಾಂಡ್ಯಾರ್ ಬಸೊನ್ ಚಿಂವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಿಯರಿಚೊ ಪರಿಣಾಮ್ ಎಕಾ ನಿರ್ಧಾರಾಕ್ ಹಾಡ್ನ್ ಪಾವಯಿಲ್ಲೊ.

ದೋನ್ ವಿಭಿನ್ನ್ ವ್ಯಕ್ತಿತ್ವ್ ಮುಖಾಮುಖಿ ಜಾಲ್ಲೆ.

ಫರಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ...

ಮಹಾಬಲ ಧನಿ ಆನಿ ಕಾಮೆಲ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಜಾಯ್ತೆಂ ಅಂತರ್ ದವರ್ತಾಲೊ. ಗರ್ಜೆ ಭಾಯ್ರ್ ಸಳಾವಳ್ ಭಿಲ್ಕುಲ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ!

ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಚುಕಿಕ್ ದೆಂಕ್ಣೊ ಮಾರುನ್ ಯಾ ಶಿಕ್ಷಾ ಲಾವ್ನ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾಲೊ.

ಕಾಮಾಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಭಿಂಯಾಚೆಂ ವಾತಾವರಣ್ ರುತಾ ಜಾತಾಲೆಂ.

ಜಾತ್ ಕಾತ್ ಮಧೆಂ ಅಂತರ್ ದವರ್ತಾಲೊ. ಅಶೆಂ ಅನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ನೀಚ್ ದಾಖಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಅಪುಣ್ ಊಂಚ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ ಪಾತ್ಯೆತಾಲೊ. ಪುಣ್ ಪೂತ್‌ರವಿ ವಿಭಿನ್ನ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ!!

ಕಾಮೆಲ್ಯಾಂ ಸಂಗಿಂ ಮೊಗಾನ್ ಚಲ್ತಾಲೊ. ಖಾಣ್ ಜೆವ್ಣಾಂತ್ ಕಿತೆಂಚ್ ತಫಾವತ್ ಕರಿನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ತಾಂಚೆ ಸಂಗಿಂ ಜೆವ್ತಾಲೊ, ಆನಿ ಖಾತಲೊ.

ತಾಂಚೆ ಸಾಂಗಾತಾಂ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ವಾಂಟುನ್ ಘೆತಾಲೊ.

ವಿಭಿನ್ನ್ ಚಿಂತ್ಪಾಚೆ ದೋನ್ ಆಡಳ್ತೆದಾರ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಕಾಮ್ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ಲೆನಾಂತ್.

ಪುಣ್ ಎಕ್ ಗಜಾಲ್ ತೆ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಜಾಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂಕೀ ದೊಗಾಂ ಮೆಸ್ತಾನಿಂ ಮೆಳೊನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಏಕ್ ಸುಫ್ ಕೆದಿಂಚ್ ರುಚಿಕ್ ಜಾಂವ್ಚೊನಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿಂ ಸಾಂಗ್ಣಿ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಲಾಗು ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್!

"ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚಿ ಬೆಸಾಯ್ ತುಜ್ಯಾ ಜವಾಬ್ದಾರೆ ಖಾಲ್ ಚಲ್ತೆಲಿ. ಸಮಾಸಮ್ ಬೆಳೆಂ ಕಾಡುನ್ ತುಜಿಂ ತತ್ವಾಂ ತುವೆಂ ರುಜು ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಮುಖಾರ್ ಹಾಂವ್ ಕೆದಿಂಚ್ ಮೆತೆರ್ ಜಾಂವ್ಚೊ ನಾಂ".

ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿನ್ ಪುತಾಚೆರ್ ಶರ್ತ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೆಂ.

"ಮ್ಹಜ್ಯಾ ರಾಜಾಂತ್ ಸರ್ವ್ ಕಾಮೆಲಿ ಎಕಾ ಪಂಗ್ಡಾಬರಿಂ ಬ್ರಾಹ್ಮಣ್. ಕೊಂಕ್ಣೊ ಮ್ಹಾರ್ ಯಾ ಕೊರ್ಗೊ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಕಿತೆಂಚ್ ತಫಾವತ್ ಆಸ್ಚೊ ನಾಂ. ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಎಕ್‌ಚ್ಚ್ ಮಾನ್ ಫಾವೊ. ಸರ್ವ್ ಸಮಾನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಆಯ್ದಾನಾಂನಿ ರಾಂದ್‌ಲ್ಲೆಂ ತೆಚ್ಚ್ ಬೊಶಿಯಾನಿಂ ವಾಡುಂಕ್ ಜಾಯ್" ರವಿನ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಮುಖಾರ್ ದವರ್‌ಲ್ಲಿ.

ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿಚೊ ಇನ್ಕಾರ್ ತಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ. ತಾಚೆ ಪತಿಣೆನ್ ಅಸಾಧ್ಯ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ವಿರೋಧ್ ದಾಖಯಿಲ್ಲೊ. ರವಿಚೆ ಭಯ್ಣ್ ದಿವ್ಯಾನ್ ಕಠೀಣ್ ಥರಾನ್ ತಿರಸ್ಕಾರ್ ಕೆಲ್ಲೊ.

ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಜಾತಿಚ್ಯಾ ಗೋವಿಂದಾ ಸಂಗಿಂ ಎಕಾಚ್ಚ್ ಬಿಯರಿಚ್ಯಾ ಬೊತ್ಲಿಕ್ ತೋಂಡ್ ಲಾವ್ನ್ ಪಿಯೆಲ್ಲ್ಯಾ ಕ್ಷಣಾ ಯಾ ಎಕ್‌ಚ್ಚ್ ಬೀಡಿ ವಾಂಟುನ್ ಧುಂವರ್ ಉಬಯಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ನೀಚ್ ಜಾತಿಚೆ ಆಮ್ಚೆಂ ಸಮಾನ್ ಜಾಯ್ನಾಂತ್ ರವಿ" ದಿವ್ಯಾನ್ ಅಕ್ರೋಶ್ ಉಚಾರ್ಲ್ಲೊ.

ಮತ್ಲಬ್? ರವಿಕ್ ದಿವ್ಯಾಚೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಪುರ್ತೆಂ ಸಮ್ಜಲೆಂ ನಾಂ. ರವಿ, ಆಮಿಂ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಯಾ ಆರ್ಥಿಕ್ ರಿತಿರ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾರ್ ಆಸಾಂವ್. ಸಮಾಜೆಂತ್ ಆಮ್ಚೆಂಚ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸಾ.

ಸಮಾನ್ ಯಾ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಸಂಬಂಧ್ ಆಮ್ಚಿ ಉಂಚಾಯ್ ಚಡಯ್ತಾ. ಗೋವಿಂದ ತಸಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾರ್ ಯಾ ಕೊರ್ಗ್ಯಾಂ ಸಾಂಗಾತಾ ತುಜಿ ಸಳಾವಳ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಸರ್ವಾಂಕ್ ನಾಲಿಸಾಯ್ ಹಾಡ್ತಾ.

ದಿವ್ಯಾಕ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ಟಚ್ಯಾ ವರ್ತುಲಾಂತ್ ದಿಸೊನ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ್ಪಣಿ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ರೆಡ್ಯಾಂ ಸಂಗಿಂ ಆಪ್ಲೆಂಚ್ ಘರಾ ಖಾತಿರ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ತಸಲ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾನ್ ವಾವುರ್ಚ್ಯಾ ಗೋವಿಂದಾಕ್ ನೀಚ್ ಜಾತಿಚ್ಯಾ ನಾಂವಾನ್ ಕಚ್ರ್ಯಾಕ್ ಸಮಾನ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ದಿವ್ಯಾಚೆರ್ ರಾಗ್ ಆಯ್ಲೊ, ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ಆಪ್ಣಾಕ್ ಅಕ್ಮಾನ್‌ಯಿ ಜಾಲ್ಲೊ.

ರವಿನ್ ವಿಚಾರ್ ಬದಲ್ಲೊ ನಾಂ...

ಆನಿಂ ಹಠಾನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚೆಂ ಬೆಸಾಯಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ಹಾತಿಂ ಘೆತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಜುಲಾಯ್ 13 ತಾರಿಕ್....

ಥೊಡ್ಯಾಚ್ಚ್ ವೆಳಾ ಆದಿಂ ಬಪಾಯ್ನ್ ತಾಕಾ ಯೇಂವ್ಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಉದೆಂತಿಚ್ಯಾ ಮೊಡಾಚ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾವಿಶಿಂ ಹಿಶಾರೊ ಕೆಲ್ಲೊ. ದೋನ್ ಗಾದೆ ರೊಂಪಿಯೆಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲೆ. ಎಕಾಚ್ಚ್ ದಿಸಾಕ್!!

ತಿತ್ಲೆಂ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ದಿಸಾ ತಾಚ್ಯಾ ಮಾವ್ಶೆಚ್ಯಾ ಧುವೆಚೆಂ ಖರಾರಾಕ್ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಸರ್ವಾಂಕ್ ವಚೊಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಪೊರಾಂ 09:34 ಜಾಲಿಂ...

ಕಾರ್ ದಾರಾರ್ ಉಬೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಪಾವ್ಸ್ ಶಿರಾಂಧಾರಿಂನಿಂ ಪೊತೊಂಕ್ ಸುರು ಜಾಲ್ಲೊ.

ರೆಡ್ಯಾಂಕ್ ರಾವವ್ನ್ ಗೋವಿಂದಾ ತಾಚ್ಯಾ ಖಾಂದ್ಯಾ ವಯ್ಲೆಂ ಜೂಂವ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಕರುನ್ ದೊರಿ ಅರ್ನಿತಾಲೊ.

ರವಿನ್ ಗೋವಿಂದಾಕ್ ತಾಕಿದ್ ದಿಲ್ಲಿ.

ಆವಾ್ಯಚೆಂ ಉದಾಕ್ ಚಡೊನ್‌ಚ್ ಆಸಾ. ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಉದ್ಕಾಚೆಂ ಮಟ್ ದೆಂವಯ್. ಎಕಾದಾ ವೆಳಾರ್ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಉದಾಕ್ ಭರ್ಲ್ಯಾರ್ ಸಾರ್‍ಯಾಚೆಂ ಉದಾಕ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ವ್ಹಾಳ್ತೆ ಖಾತಿರ್ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಮೆರೆಕ್ 'ಎರಂಗಡಿ' ದವರ್. ರೆಡ್ಯಾಂಕ್ ನಿತಳ್ ಕರುನ್ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಭಾಂದುನ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಗಾಲ್. ಆನಿ ಉರ್‌ಲ್ಲಿ ನೇಜ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ದವೊರ್ ಆವಾ್ಯಚ್ಯಾ ಉದ್ಕಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ತಶೆಂಚ್ ಶಾಭಿತಾಯೆನ್! ಉದೆಂತಿಚೆಂ ಮೋಡ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪಾವ್ಸ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಬರಿಂ ದಿಸಾನಾ" ರವಿಚ್ಯಾ ಆದೇಶಾಕ್ ಗೋವಿಂದಾನ್ ಮಾನುನ್ ಘೆತ್ಲೆಲೆಂ.

ಎಕಾ ಕುಸ್ತಿಗಾರಾ ಬರಿಂ ಘಟ್ ಮೂಟ್ ಕೂಡ್ ತಾಚೆ!

ಬಳಿಷ್ಟ್ ತರ್ನ್ಯಾ ಕುಡಿಕ್ ದೊಗಾಂಚೆಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ಚೆಂ ಸಕತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ವ್ಹೋತ್. ಪಾವ್ಸ್ ಯಾ ವಾರೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ತಾಕಾ ಆಡಂವ್ಕ್ ಬರಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಕಾರ್ ಅಂಗ್ಣಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾನಾ ವೊರಾಂ 10:09 ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸ್ಯರ್‍ಯಾಂಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರ್ ಅಸಲ್ಯಾ ಸನ್ನಿವೇಶಾಂತ್ ಫಕತ್ತ್ ಗೋವಿಂದಾಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಥಪುಂಕ್ ರವಿಕ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಮನ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿನ್ ಮೌನ್ ಸಾಂಬಾಳ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಬಹುಶಾ ಪುತಾಚಿ ಸಮರ್ಥಿ ಪಾರ್ಕುಂಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಯಾ ಶರ್ತಾಕ್ ಖಾಲ್ ಜಾವ್ನ್!

ಸಾಂಜೆಚಿಂ ವೊರಾಂ 3:52 ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲಿಂ.

ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ್ ಮುಗ್ದೊನ್ ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿಚೆಂ ಕಾರ್ ಪಾಟಿಂ ಧಾಂವ್ತಾಲೆಂ. ಜೊರಾನ್ ವೊತುನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಕ್ ಚೇರ್ಸ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಪರಿಂ ಪಾವ್ಸ್ ಅಜೂನ್ ರಾವೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

"ಉದೆಂತಿಚೆಂ ಮೋಡ್ ಅಜೂನ್ ನಿತ್ಳೊಂಕ್ ನಾಂ" ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿ ಧವ್ಯಾ ಜಿಬ್ಬ್ಯಾರ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲಿ ಕಡಿಯೆಚಿಂ ಖತಾಂ ನಿತಳ್ ಕರ್ತಾಲೊ. ರವಿ ಸಾಂಖೊವ್ ಉತರ್ತಾನಾ ನ್ಹಯಾ ತೆವ್ಶಿಂ ತಿಳುನ್ ಕಾರಾಚೆಂ ವೇಗ್ ಚಡಾಯ್ತಾಲೊ.

ಶೆಟ್ಟಿಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಶಾರದಾ "ಇತ್ಲೊ ಪಾವ್ಸ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಪಳೆಂವ್ಚೊ" ಮ್ಹಣ್ ಗಾಲಾಂಚೆರ್ ಹಾತ್ ಚರಾಯ್ತಾಲಿ.

ಅಶೆಂ ಅಖೇರ್ ತಿಂ ಘರಾ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿಂ.

'ಕೈಲಾಸ'ಚಿ ಜಯ್ತ್ಯಾ ಗೇಟ್ ಉಗ್ತಿ ಜಾತಾನಾ ತಾಂಕಾಂ ಥಂಯ್ಸರ್ ಚಿಂತಿನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ರಾಕೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ರೊಂಪಿಯೆಕ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಂ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಆಪ್ಲೆಂ ಕಾಮ್ ಸಂಪವ್ನ್ ಘರಾ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ವಯ್ಲೊ ಗಾದೊ ಭರೊನ್ ಕದ್ವಳ್ ಉದಾಕ್ ಮೆರೆ ವಯ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ಚಾರಾಯ್ ಕುಶಿನಿಂ ವೊಮ್ಮಾತಾಲೆಂ.

ಬಹುಶಾ ಗೋವಿಂದ ಎರಂಗಡಿ ದವ್ರುಂಕ್ ವಿಸಾಲ್ಲೊ. ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ರೆಡೆ ದಿಸ್ಲೆನಾಂತ್. ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿಂ ಲಾಯಿಲ್ಲೆಂ ಖಾವ್ನ್ ಸರ್ವ್ ದೆಸ್ಪಾಟ್ ಜಾಲೆಂ. ಚಿಕ್ಲಾಂತ್ ಬುಡೂನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಯಾ ರೆಡ್ಯಾಂಕ್ ನಿತಳ್ ಕರುಂಕ್ ನಾಂ ಆನಿ ಬಾಂದುನ್ ಗಾಲ್ನ್ ಪೊಟಾಕ್ ಗಾಲುಂಕ್ ನಾಂ ತೆ ಸ್ಪಷ್ಟ ಕಳ್ತಾಲೆಂ.

ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ಗಾದ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಉದಾಕ್ ಏಕ್ ಫುಟ್ ಭರ್ ಬರೊನ್ ಗೋವಿಂದಾಚ್ಯಾ ವಸ್ತೆ ಕುಡಾಕ್ ತಶೆಂಚ್ ತಾಚೆ ಪಾಟ್ಲಾನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಗುದಾವಾಂಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಗೋವಿಂದಾಕ್ ಉಲೊ ಮಾರ್ನ್ ವಸ್ತೆ ಕುಡಾ ತೆವ್ಶಿಂ ವೆತಾನಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ಬೀಗ್ ಉಮ್ಕಾಳ್ಚೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ನಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಖಚಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ತುರ್ತಾನ್ ಬೀಗ್ ಕಾಡುನ್ ಗುದಾವಾಂತ್ ರಿಗೊನ್ ದಾಸ್ತಾನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಭಾತ್ ಸುರಕ್ಷಿತ್ ಕರಿನಾಂ ತರ್ ಲೆಖಾ ವರ್ತೊ ನಷ್ಟಾಂತ್ ದುಬಾವ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಗೋವಿಂದಾ! ಗೋವಿಂದಾ! ಗೋವಿಂದಾ!!

ಸರ್ವಾಂನಿ ಜೊರಾನ್ ಉಲೊ ಮರ್ಲ್ಯಾರೀ ಗೋವಿಂದಾಚೊ ಅವಾಜ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಸಾಕಾಳಿಂಚಿ ಕಾಫಿ ಪಿಯೆಲ್ಲೊ ಗೋವಿಂದಾಚೊ ಲೊಟೊ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ!

ದೊನ್ಪಾರಾಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಚಿ ವಾಟ್ಲಿ ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಕಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಆಕಾಂತಾ ವಯ್ರ್ ಅಕಾಂತ್!! ಖಂಯ್ ಗೆಲಾ ಗಾಯ್?

ಬಾರಿಕ್ ಶೆಂ ಭ್ಶೆಂ ಸರ್ವಾಂ ಥಂಯ್ ಉದೆಲೆಂ!!

ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ತ್ ತಾಣಿ ತೀಳ್ನ್ ಪಳೆಲೆಂ! ನಾಂ!

ತಾಳ್ಯಾಂತ್ ಆನಿ ನ್ಹಂಯ್ತ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ನಾಂ!!

'ಧನ್ಯಾ' ಕಾಂಪೆರ್ಯಾ ಹಾತಾಂಕ್ ಆಕಾಶಾಕ್ ಉಬಾರುನ್ ಗೋವಿಂದ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

'ನ್ಹಂಯ್ ಪಲ್ತೊಡಿಚಿ ನೇಜ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ ನಾಂ ಧನ್ಯಾ" ಗೋವಿಂದಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದುಃಖಾಂ ಮಧೆಂ ಭ್ಶೆಂ, ಕಾವ್ಜೆಣಿ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ಆಸ್ತಾಂ, ಚೋರ್ವಣಾಂ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ರವಿಕ್ ವೇಳ್ ಲಾಗ್ಲೊ ನಾಂ.

ವ್ಹಚ್ ಆನಿ ಬೀಗ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕರ್. ಎಕ್ಚ್ಚ್ ಏಕ್ ಕಾಮ್ ತುವೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ಕರುಂಕ್ ನಾಂಯ್. "ಅಶ್ರೇಕ್ ತರೀ ಥೊಡ್ಯೊ ಮುಣೀ ಭಾತಾಚೆ ಗೋಣಿಯೊ ಮಾಳ್ಯಾರ್ ದವರ್" ರವಿ ಘರ್ಜಾಲೊ.

ಗೋವಿಂದಾನ್ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಹಾತ್ ಗಾಲುನ್ ಬೀಗಾ ಚಾವಿ ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾನಾ ತಿ ತಾಕಾ ಮೆಳ್ಳಿ ನಾಂ.

ಅನಾಹುತಾಂ ಎಕಾ ವಯ್ರ್ ಏಕ್ ರಾಕೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ.

ರವಿನ್ ರಾಗಾನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಪರಿಂ ಬಾಗ್ಲಾಕ್ ಖೊಟ್ ಮಾರ್ನ್ ಉಗ್ತೆಂ ಕೆಲೆಂ.

ಗೋವಿಂದಾನ್ ತಶೆಂಚ್ ಹೆರಾಂನಿಂ ರವಿಚೊ ಹೊ ಜಿನೊಸ್ ಹಾಚ ಆದಿಂ ಪಳೆಲ್ಲೊ ನಾಂ.

ಘಡ್ಗಡ್ಯಾ ಆನಿ ಜಗ್ಲ್ಯಾಣ್ಯಾಂನಿ ವೀಜ್ ಬಂಧ್ ಕೆಲ್ಲಿ.

'ಎಮರ್ಜೆನ್ಸಿ ಚಾರ್ಜ್ ಲೈಟ್' ದಿವ್ಯಾಚ್ಯಾ ರೂಮಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಸರಾರಾಂ ಮೆಟಾಂ ಕಾಡುನ್ ದಿವ್ಯಾಚ್ಯಾ ರೂಮಾ ಥಾವ್ನ್ ಬಾಯ್ರ್ ಯೆತಾನಾ ಕಸಲೊಗೀ ಪರಿಚಿತ್ ಪರ್ಮಳ್ ನಾಕಾಕ್ ಅದಾಳ್ಳೊ.

ಲೈಟಾಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್ ದಿವ್ಯಾಚ್ಯಾ ಹಾಂತುಳ್ನಾರ್ ಕಿತೆಂಗೀ ಝುಳ್ಕಾಲೆಂ.

ಗೋವಿಂದಾಚ್ಯಾ ವಸ್ತೆ ಘರಾಚಿ ಚಾವಿ!!

ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ಮುದೊ ಕರುನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ. ತೊ ಬಿಡಿಯೆ ಕಾಟ್.

ತ್ಯಾ ಹಾಂತುಳ್ಳೆ ಥಾವ್ನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ಗೋವಿಂದಾಚೊ ಘಾಮಾಚೊ ಪರ್ಮಳ್!!

ತಿಂ ಚಿಕ್ಲಾಂತ್ ದೆಂವ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಂಚಿ ಮೆಟಾಂ!

ದಿವ್ಯಾನ್ ತಕ್ಷಿ ಫಡಾ ಫಡೆಚೆಂ ನೀಬ್ ಘೆವ್ನ್ ಖಿರಾರಾಚ್ಯಾ ಸಂಭ್ರಮಾಕ್ ಇನ್ಕಾರ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ಧನ್ಪಾರಾಂ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕೊಲೇಜಿಂತ್ ಪರೀಕ್ಷಾ ಆಸಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಾಂಗ್‍ಲ್ಲೆಂ.

ರವಿಚ್ಯಾ ಆದೇಶಾಚೆಂ ಪಾಲನ್ ತಾಣೆಂ ಕೆಲೆಂ!

ಸಕಾಳಿಂಚಿ ಕಾಫಿ ಆನಿ ದನ್ಪಾರಾಚೆಂ ಜೆವಾಣ್ ತಾಕಾ ದಿವ್ಯಾನ್ ವೆಳಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾಕ ಬಾಂಕಾರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿ ಬೊಶಿ ಸಾಕ್ಸ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲಿ!ಭಾಯ್ರ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ರವಿನ್ ಗೋವಿಂದಾಕ ಘೊರೊಜ್ ಮಾರ್ಲಿ.

"ಆಜ್ ಥಾವ್ನ್ ಹ್ಯಾ ಸುಣ್ಯಾಕ್ ವಿಂಗಡ್ ಬೊಶಿಯೆಂತ್ ಧರ್ಣಿರ್ ಬಸವ್ನ್ ಜೆವಾಣ ಘಾಲಾತ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹಿ ಜಾತ್ ಸಮಾನ್ ಸ್ಥಾನಾರ್ ಘಾವೊ ನ್ಹಯ್. ಉಷ್ಟೆಂ ಖಾಂವ್ಚೆಚ್ ತಾಂಚಿ ಯೋಗ್ಯತಾ" ದೊಳ್ಯಾಂ ಮುಕ್ಲೊ ನಿಕಾಳ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಹಿಶಾರೊ ರವಿಚ್ಯಾ ರಾಗಿಷ್ಟ್ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ಝಳ್ಕಾತಾಲೆಂ.

ಗೋವಿಂದಾಚ್ಯಾ ಘಾಮಾಚ್ಯಾ ಪರ್ಮಳಾಕ್ ಕಾಂತಳ್ಳೊ ತೊ.

ಆವಯ್ ಶಾರದಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಮಂದ್ ಹಾಸೊ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ.

ಮೂತ್ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ವಾಟೆಕ್ ಪರ್ತಾಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್!

ಮಹಾಬಲ ಶೆಟ್ಟಿನ್ ದಿಗಂತಾಚೆರ್ ದೀಷ್ಟ್ ಲಾವ್ನ್ ಆಪ್ಲೆ ದಾಟ್ ಮಿಶಿಯೊ ವೊಳಾಯ್ಲೆ!

ಪೂತಾ ಮುಕಾರ್ ಶರ್ತ್ ಜಿಕ್‍ಲ್ಲೊ ಅಭಿಮಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ತಾಕಾ!! ಆನಿ ತ್ಯಾ ದಿಸಾ...

ರವಿ ಎಕ್ಸುರೊ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಪೆಟಯ್‍ಲಾಗ್ಲೊ. ವಾಂಟುನ್ ವೊಡ್ಚ್ಯಾ ಬಿಡಿಯೆಕ್ ಕಾಂತಳ್ಳೊ.

ತಶೆಂಚ್....

'ದಿವ್ಯಾ ಶೆಟ್ಟಿ'ಚಿ ಪರೀಕ್ಷಾ ತಾಣೆಂ ಚಿಂತ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ತಿತ್ಲಿ ಸಲೀಸ್ ನಾತ್‍ಲ್ಲಿ.

ಉದೆಂತಿಚೆಂ ಮೋಡ್ ನಿತ್ಳೊನ್ ಮೊಳಾಬ್ ನಿಳ್ಯಾ ರಂಗಾಕ್ ಪರ್ತಾಲ್ಲೆಂ!!

*** – ***

(ಪಯ್ಣಾರಿ, 2018)

ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್

ಡಿಸೆಂಬರ್ 3, 2016

ಸನ್ವಾರಾಚೊ ದೀಸ್ ತೊ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ರಾತಿಂ ವೇಳ್ ರಾತಿ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಪಾರ್ಟಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂತ್ ವಿನೋದ್ ಹರ್ಶೆಂಬ್ಯಾಕೀ ವೇಳ್ ಕರ್ನ್ ಉಟ್‌ಲ್ಲೊ.

ಡಿಸೆಂಬರಾಚ್ಯಾ 25 ತಾರಿಕೆರ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ದೀಸ್ ನಮ್ಯಾರ್‌ಲ್ಲೊ. 15 ತಾರಿಕೆರ್ ದೊಹಾ ಥಾವ್ನ್ ವೆಚಿ ಟಿಕೆಟ್ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲಿ ತರ್ ಅಜೂನ್ ಪುರ್ತೆಂ ಶೊಪಿಂಗ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

'*Qatar Airway*'ನ್ ತಾಕಾ ಸನ್ವಾರಾಚಿ ರಜಾಯಿ ದಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಕಾ ತಡವ್ ಕರ್ನ್ ಉಟ್ಚೆಂ ಮನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಭಯ್ಣ್ ರೆನ್ನಿನ್ ಗಾವಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಫೋನ್ ಕರ್ನ್ ತಾಕಾ ಗೂಂಡ್ ನಿದೆ ಥಾವ್ನ್ ಉಟಯಿಲ್ಲೆಂ. ಗಾವಾಂತ್ ಬಾಬ್, ಮಾಂಯ್ ಆನಿ ರೆನ್ನಿ ಭರಾನ್ ಆನಿ ಭೋವ್ ಉರ್ಭೆನ್ ವ್ಹಡ್ಳೆಂ ಬರಿಂ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಚಿ ತಯಾರಾಯ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ.

ಗಾವಾಂಕ್ ಪಾವೊನ್ ಫಕತ್ತ್ 13 ದಿಸಾಂನಿ ಕಾಜಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ!!

ವಾಟ್ಸಪಾರ್ ರೆನ್ನಿನ್ ಕಾಮಾಂಚಿ ಪಟ್ಟಿ ಧಾಡ್‌ಲ್ಲಿ.

ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸೈರ್ಯಾಂಕ್, ಖಾಸ್ ಮಿತ್ರಾಂಕ್ ಆನಿ ನವ್ಯಾ ಸೈರ್ಯಾಂಕ್ ಆಪವ್ಣೆಂ, ಸಾಡೊ, ಮಾಂಯ್ಚೆಂ ಕಾಪಾಡ್ ಆನಿ ಕರಿಯಮಣಿ ಕಾಡುಂಕ್!!

ದೋನ್ ದೀಸ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದೊತೊರ್ನೆಕ್!

ವಿಗಾರಾಂಕ್ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ಆನಿ ಸುಟಾವೆಂ ಕುಮ್ಸಾರ್!!

DJ ಕ್ ಆನಿ ಬೆಂಡಾಗಾರಾಂಕ್ ಮೆಳಂವ್ಕ್!!

ಎಕಾ ಸಾಂಜೆರ್ ಇಷ್ಟಾಂಕ್ 'ಬೆಚೊಲರ್ ಪಾರ್ಟಿ'!!

ಮಧೆಂ ಎಕಾ ದಿಸಾ ರೆನ್ನಿಚೊ ಬರ್ಥ್‌ಡೇ ಆನಿ ಏಕ್ ದೀಸ್ ಕ್ರಿಸ್ಮಸ್!!

ಖಿರಾರ್!! ರೋಸ್ ಆನಿ ಕಾಜಾರ್!! ರೆನ್ನಿಚಿ ಪಟ್ಟಿ ಲಾಂಬ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ!!

ತಾರಿಕೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಯೋಜನ್ ಮಾಂಡುಕ್ ರೆನ್ನಿನ್ ಕಳಯಿಲ್ಲೆಂ. ಭೋವ್ ವರ್ತೆ ವ್ಹಿನತೆನ್ ದೋನ್ ವೊರಾಂನಿ ಮಾಂಡವಳ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ಕಿತೆಂಚ್ ಕಾಡ್ಚೆ ಬರಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಕುಡ್ಸುಂಕ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಭೋವ್ ಉಣೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

ಭೋವ್ ಕಷ್ಟಾಂನಿ ದೋನ್ ದೀಸ್ ಖಾಲಿ ದವರ್‌ಲ್ಲೆ.

ಖಾಸ್ಗಿ ಕಾಮಾಕ್ ಆನಿ ನತಾಲಿಯಾ ಖಾತಿರ್!!

ನತಾಲಿಯಾ ಗೋಮ್ಸ್!!

ತಾಚ್ಯಾ ಫಿರ್ಗಜೆಂತ್ ಲೊಕಾ ಮೊಗಾಳ್ ನಾಂವ್. ಯುವ ಸಂಘಾಂತ್ ಮುಖೆಲಿ! ಖೆಳಾ ಪಂದ್ಯಾಟ್ಯಾಂತ್ ಉಕಲ್ಲೊಲೊ ಹಾತ್.

ದೊತೊರ್ನಿಚ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಟೀಚರ್!!

ಆಯ್ತಾರಾಚ್ಯಾ ಕೊಯೆರಾಂತ್ ತಶೆಂಚ್ ವಾಚ್ಪಾಂ ವಾಚುಂಕ್ ಚುಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಪಾತ್ರ್!

ಲಿತುರ್ಜಿಕ್ ಕಾಮಾನಿಂ ಕಾರ್ಯಾಳ್ ಸಾಂದೊ!

ವಿನೋದ್ ಹಾಚೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ವಿರೋಧ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ.

"ತುಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಧರ್ನ್ ವೋಡ್ನ್ ಮಿಸಾಕ್ ವೊರ್ತಾಗೀ ನಾಂ ಪಳೆ" ಮ್ಹಣ್ ರೆನ್ನಿನ ನತಾಲಿಯಾ ವಿಶಿಂ ತಮಾಷೆ ಕೆಲ್ಲೆ.

"ತಾಚ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಕ್ ಉಮ್ಕೊಲೊನ್ ತರೀ ಸರ್ಗಾಕ್ ವೆತಾಂ" ಮ್ಹಣ್ ವಿನೋದಾನ ಸಬಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ.

ಎಕಾ ದಿಸಾಚಿ ಪುಣೀ ಸಾಂಗಾತಾಂ ರೆತಿರ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್. ಶಾಂತಿ ನಗರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ರೆತಿರ ಮಂದಿರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಪಾದ್ರ್ಯಾಬಾಚಿ ಶಿಕವ್ಣ್ ಭೋವ್ ಅರ್ಥಭರಿತ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಕಾಜಾರಿ ಜಿಣಿಯೆಚ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ಪಾಂವ್ಡ್ಯಾರ್ ಮೆಟ್ ದವರ್ತಾನಾ ಜಿಣ್ಯೆಚೆರ್ ನಿಯಾಳ್ ಕರ್ಚೊ ಗರ್ಜೆಚೊ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಮ್ಹಣ್ ನತಾಲಿಯಾನ್ ಸಮ್ಜಾಯಿಲ್ಲೆಂ.

ದೀಸ್ ಭರ್ ಬಸೊಂಕ್ ಕಷ್ಟಾಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ವಿನೋದಾನ್ ನಾ ಖುಶಿ ದಾಖಯಿಲ್ಲಿ.

ಕಾಜಾರಾಕ್ ಅಪವ್ಣ್ಯಾಚಿ ಪಟ್ಟಿ ತಯಾರ್ ಜಾತಾಲಿ.

ದಿಸಾನ್ ದೀಸ್ ನಾಂವಾಂ ಚಡೊನ್ಂಚ್ ವೆತಾಲಿಂ. ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಲಗ್ಗಗ್ 28 ವರ್ಸಾನಿಂ ಜಾಯ್ತೊ ಲೋಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಆಯಿಲ್ಲೊ ತರೀ ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಂಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ದವರ್ಚೆಂ ಕಷ್ಟಾಂಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ರೆನ್ನಿಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾ ವೆಳಾರ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಲಾಗ್ಗಿಲ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಕ್ ಆಪವ್ಲೆಂ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಅಸಲಿ ಚೂಕ್ ಹ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ವಿನೋದಾಕ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ಪಸಂದ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ವಿವಿಧ್ ಮೂಲಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಕೊಲೇಜಿಚ್ಯಾ ಮಿತ್ರಾಂಚೊ ಸಂಪರ್ಕ್ ಜಮೊ ಕೆಲ್ಲೊ. ಹ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂಚೊ ಮೊಟೊ ವಾಂಟೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

"ಹಾಯ್"

ವಾಟ್ಸ್‌ಪಾರ್ ನವೊ ಸಂದೇಶ್ ಉದೆಲ್ಲೊ.

'ದಿಶಾ ಶೆಟ್ಟಿ' ಆತುರಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ವಿನೋದಾನ್ 'ಹಾಯ್' ಮ್ಹಣ್ ಜವಾಬ್ ಧಾಡ್ಲಿ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾ ಧಾಡ್ಲ್ಲೆಂ ಆಪವ್ಲೆಂ ಪಾವಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. 'ದಿಶಾ ರಕ್ಷಿತಾ ಶೆಟ್ಟಿ'!!

ಕೊಲೇಜಿಚೊ ಪನ್ಸೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಜಿವೊ ಜಾಂವ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಭೋವ್ ಕಷ್ಟಾಂನಿ ತಾಣೆಂ ತಾಚೆರ್ ಧಾಂಕಣ್ ಧಾಂಪ್ಲ್ಲೆಂ.

ತ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿಂ...

ವಿನೋದ್ ಆನಿ ದಿಶಾ ಸಾಂಗಾತಾಂ ಬ್ಯಾಡ್ಮಿಂಟನ್ ಖೆಳ್ತಾಲಿಂ. ಖೆಳ್ತಾನಾಂ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಮೊಚ್ಯಾಂಚೆ ನಾಡೆ ಸುಟ್ಲ್ಲ್ಯಾ ತವಳ್ ವಿನೋದ್ ಅರ್ಧ್ಯಾ ದಿಂಬಿಯಾನಿಂ ದಿಶಾಚೊ ಪಾಂಯ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದೊಂಪ್ಯಾರ್ ದವರ್ನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಮೊಚ್ಯಾಂಚೆ ನಾಡೆ ಅರ್ನಿತಾಲೊ. ತವಳ್ ತಾಚೊ ಹುನೊನಿಂ ಉಸ್ವಾಸ್ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಕ್ ಉಬ್ ದಿತಾಲಿ. ತರ್ ತಾಚ್ಯಾ ಘಾಮಾಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ನಾಕಾಂಕ್ ಉಲ್ಲಾಸ್ ದಿತಾಲೊ.

ಸಬಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬೈಕಾರ್ ಬಸೊವ್ನ್ ಘರಾ ಪಾಯ್ತಾನಾ ದಿಸಾಚೆಂ ವೊಂಠಾಂ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಗೊಮ್ಟೆಕ್ ಸ್ಪರ್ಶ್ ಜಾತಾಲಿಂ. ಪುರ್ವೆರ್ ಪಾಟಿರ್ ದವರ್ಲ್ಲೊ ಹಾತ್ ಘೊಂಡ್ಕುಲ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾನಿಂ ಚಮ್ಕತಾನಾ ದಿಶಾಚೆ ಹಾತ್ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾ ಭೊಂವ್ತಿ ರೆವೊಡ್ ಘಾಲ್ತಾಲೆ. ಖೆಳಾಚ್ಯಾ

ಟೋರ್ಟಾಂತ್ ಜೀನ್ಸ್ ಶೋರ್ಟ್ಸ್‌ಚ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಥಾವ್ನ್ ದುದಾ ಸಾರ್ಕೆ ಧವೆ ಪಾಂಯಾಂ ಪಟ್ಟೆ ವಿನೋದಾಚೆಂ ಗಮನ್ ಖೆಳಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ವ್ಹರ್‍ತಾಲೆ.

ಗೊರ್‍ವ್ಯಾಚ್ಡ ಕಾತಿಚ್ಯಾ ಗೊಮ್ಮ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಝುರಿಬರಿಂ ದೆಂವ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ನಿತಳ್ ಘಾಮಾಚೊ ವ್ಹಾಳೊ ಹರ್ಧ್ಯಾ ತೆವ್ಶಿಂ ದೆಂವೊನ್ ಆಪ್ಲಿ ವಾಟ್ ಕರುನ್ ವೆತಾನಾ ತಾಚೊ ಪಾಟ್ಲಾವ್ ಕುರ್ಯಾಂಶೆಂ ತಾಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ. ಎಕಾ ಉತ್ರಾನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ವಿನೋದ್ ಚಿಂತಿನಾಸ್ತಾನಾ ಮೊಗಾರ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೊ. ದಿಶಾಚ್ಯಾ ಸೊಭಿತ್ ಸುಂದರ್ ಕುಡಿ ಥಂಯ್!!

ದಿಶಾಚೆ ಆಕರ್ಶಿಕ್ ದೊಳೆ 'ಹಾಂವ್ ಕೆದಾಳಾ ಥಾವ್ನ್ ತಯಾರ್ ಆಸಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಹಿಶಾರೊ ಕರ್‍ತಾಲೆ!!

ಪುಣ್ ವಿನೋದಾಕ್‌ಅಡ್ವಣ್‌ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ!!

ವಿನೋದ್ ಆನಿ ದಿಶಾ ಎಕಾ ಪ್ರಾಯೆಚಿಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಎಕಾಮೆಕಾಚ್ಯಾ ಎಕ್ವಟಾಚಿ ವಾಟ್ ಭೋವ್ ಲಾಂಬ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಪಾರ್ಕಿ ಜಾತಿಚ್ಯಾ ಚಲಿಯೆಕ್ ಸ್ವೀಕಾರ್ ಕರುಂಕ್ ವಿನೋದಾಚಿ ಆವಯ್ ಕೆದಿಂಚ್ ತಯಾರ್ ನಾಂ ಮ್ಹಣ್ ತಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ!!

ಆನಿ ಅಶೆಂ ತೊ ನಿಶ್ಚಿತ್ ದೀಸ್ ಮುಕಾರ್ ಉಬೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಮೊಡೆಲಿಂಗಾಂತ್ ಆಸಕ್ತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದಿಶಾನ್ ಬೆಂಗ್ಳುರಾಚಿ ವಾಟ್ ಧರ್‌ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ವಿನೋದ್ ಬೊಂಬಾಯ್ ಆನಿ ಮುಕಾರ್ ಗಲ್ಫಾಕ್!!

ಚಿಂತ್ನಾ ಸಾಗೊರಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವಿನೋದಾನ್ ದಿಶಾಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಸಂದೇಶಾಕ್ ರಾಕೊನ್ ರಾವ್ಲೊ. *Typing*...ಮ್ಹಣೊನ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಅತ್ರೆಗ್ಲೊ ತೊ.

ತೊ ನಿರಾಶಿ ಜಾಲೊ ನಾಂ!!

ಆದ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಪಾರ್ಟೆಂತ್ಲೆಂ ಅಮಾಲ್ ಅಜೂನ್ ತಾಚ್ಯಾ ರಗ್ತಾಂತ್ ಧಾಂವೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ತೆಂ ಸಬಾರ್ ತೆಂಪಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಂಪರ್ಕ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಕಾಳಾರ್ ಅಶೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊಗಾ ಸವೆಂ ಚಡಿತ್ ಸಳಾವಳ್ ಆಶೆಲೆಂ.

ದಿಶಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮೊಡೆಲಿಂಗಾಚೆ ಸಬಾರ್ ಫೋಟೊ ಧಾಡ್‌ಲ್ಲೆ. ವಿವಿಧ್ ಭಂಗೆನ್! ವಿವಿಂಗಡ್ ಆಟ್ ನೆಟಾನಿಂ! ಆನಿ ಥೊಡ್ಯೊ ದಾದ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಉದ್ರೇಕ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ತಸಲ್ಯೊ!!

23:00 ಮಿನುಟಾಂ ತಾಣೆಂ ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ *Chatting* ಕೆಲ್ಲೆಂ... ದಿಶಾನ್ ಕಾಜಾರಾಚೆ ಅಭಿನಂದನ್ ಕರ್ಚೆ ಸವೆಂ ವಿಂಗಡ್ ಪಾರ್ಟಿ ವಿಚಾರ್‌ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ಅಶೆಂ ಬೆಂಗ್ಳುರಾಕ್ ಅಪವ್ಣೆಂ ದಿಲ್ಲೆಂ.

ಆಹ್ವಾನ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಅರ್ಥಾಚೊ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲೊ.

ಬೆಂಗ್ಳುರ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ವ್ಹಯ್ ನಹಿಂ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಖಂಯ್ಸರ್? ವಿನೋದಾನ್ ಇರಾದೊ ನಿಘಂಟ್ ಕರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲೆಂ.

'ಮ್ಹಜೆ ಸಂಗಿಂ, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪ್ಲೇಟಾಂತ್ ಮ್ಹಜೆ ಜಿಣೆಂ ಥೊಸ್ತಾಲಿಂ. ತುಕಾ ಕೊಣ್‌ಂಚ್ ನಾಂತ್' ದಿಶಾನ್ *'Smily'* ಧಾಡ್ಲೊ.

'ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್!?'ವಿನೋದಾನ್ ಪಾಟಿಂ *'Smily'* ಧಾಡ್ಲೊ.

'ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್!?' ದಿಶಾನ್ ಪ್ರಶ್ನಾರ್ಥಕ್ ಸಂಕೇತ್ ಕೆಲೊ.

"ಏಕಾ ಚಲ್ಯಾನ್ ಅನ್ಯೆಕಾ ಚಲಿಯೆಸಂಗಿಂ ಎಕ್ಸುರಾಯೆಂತ್ ಎಕಾ ಅಯಿನ್ನ್ ಕಾರಣಾ ಖಾತಿರ್ ಮೆಳ್ಚೆಂ" ವಿನೋದಾನ್ ವಿವರ್ಸಿಲೆಂ.

"OK. I mean dating" ಸಮ್ಜಾಲೆಂ. ಆನಿ *'OK'* ಮ್ಹಣೊನ್ ದಿಶಾನ್ ಜವಾಬ್ ಧಾಡ್ಲ್ಲಿ.

Dec 22 ತಾರಿಕ್ ಸಾಕಾಳಿಂ 08:00 ವೊರಾರ್ 'ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್'! ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಕ್ ಜಾಯ್ತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಬರಿಂ *'Thumps up'* ಸಂಕೇತ್ ದಿಶಾ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆಲೊ.

ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಕಾಮಾಚ್ಯಾ ಪಟ್ಟೆರ್ ಅನ್ಯೆಕ್ ಕುಡ್ಸುಂಕ್ ಪಡ್ಲೆಂ. ಮೆಜಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಪಟ್ಟೆರ್ *Dec 22* ತಾರಿಕೆರ್ ಖಾಲಿ ದವರ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್ 'ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್' ಮ್ಹಣ್ ದಾಂಬುನ್ ಬರಯ್ಲೆಂ ವಿನೋದಾನ್. ನತಾಲಿಯಾ ಸಂಗಿಂ ಭಾಯ್ರ್ ವಚೊಂಕ್ ದೀಸ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ. ನತಾಲಿಯಾನ್ ವ್ಹಡಾ ಖುಶೆನ್ 'ಪ್ಲಾನ್' ಕರುನ್ ದವರ್ಲ್ಲೆಂ!! ವಿನೋದಾಕ್ ವೇಳ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ!

ಪಾಸ್ ಪೊರ್ಟಾಚ್ಯಾ ತುರ್ತ್ ಕಾರಣಾಕ್ ಬೆಂಗ್ಳುರ್‌ವೆಚೆಂ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ವಿನೋದಾನ್ ಘರ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಕಳಯಿಲ್ಲೆಂ. ಪಾಸ್‌ಪೊರ್ಟಾಚೆಂ ಕಾಮ್ ವಿನೋದಾ ಸಂಗಿಂ ವೇಳ್ ಖರ್ಚುಂಚ್ಯಾಕೀ ಗರ್ಜೆಚೆಂ ಮ್ಹಣ್ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಸಮ್ಜಣಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಎಕಾಮೆಕಾಕ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಪಾರ್ಕ್, ಸಿನೇಮಾ ಆನಿ ಐಸ್‌ಕ್ರೀಮಾಕ್ ಅಮಾನತ್ ದವರ್ಲ್ಲೊ ದೀಸ್ ದಿಶಾನ್ ಕೆದಾಳಾ ಚೊರ್ಲ್ಲೊ ತೆಂ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಕಳಂವ್ಕ್‌ಚ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

'All the best happy Journey' ಅದ್ಲ್ಯಾ ಸಾಂಜೆರ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದೊತೊರ್ನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ನತಾಲಿಯಾನ್ ವಿನೋದಾಕ್ ಬೆಂಗ್ಳೂರ್ಚ್ಯಾ ಪಯ್ಣಾಕ್ ಬರೆಂ ಮಾಗ್ಲೆಂ.

ವಿನೋದಾವಿಣೆಂ ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಕಷ್ಟಾಂಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಶಾಂತಿ ನಗರ್ ರೆತಿರ್ ಮಂದಿರಾಂತ್ ಎಕಾ ದಿಸಾಚಿ ರೆತಿರ್ ಹರ್ಯೆಕಾ ಬ್ರೆಸ್ತಾರಾ ಆಸಾ ಕೆಲ್ಲಿ. ಪಾದ್ರ್ಯಾಬ್ ಎಕ್ ಬರೊ ಪ್ರಸಂಗ್‌ಗಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಸುತ್ತುರಾಂತ್ ಭೋವ್ ಲೊಕಾ ಮೊಗಾಳ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ಜಾಯ್ತ್ಯಾಂಕ್ ಬರೆಪಣ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಲೆಂ. ನತಾಲಿಯಾನ್ ವೆಚಿ ಮಾಂಡವಳ್ ಕೆಲಿ.

'ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಮ್ ಬರ್ಯಾನ್ ಜಾಂವ್ಕ ಮಾಗ್' ವಿನೋದಾನ್ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ವೊಕ್ಲೆ ಮುಖಾರ್ ಮುಗ್ದ್‌ಪಣಾಚೊ ವೇಸ್ ಪಾಂಗುರ್ಲೊ. "ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್" ತಶೆಂಚ್ ಸಾಕಾಳಿಂ 08:00 ಥಾವ್ನ್ ಸಾಂಜೆರ್ 05:00 ವೊರಾಂ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಫೋನಾ ಮುಖಾಂತ್ರ್ ಯಾ ವಾಟ್ಸ್ಯಾಪಾರ್ ಧೊಸ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರಿನಾಕಾ. ಫೋನ್ ಉಪ್ಯೋಗ್ ಕರುಂಕ್ ಅಡ್ವಾರ್ಲ್ಲಾಂ. ಆನಿ ತುಜೆ ತಸಲ್ಯಾ ದೆಂವ್ಚಾರಾಚ್ಯಾ ನಾಡ್ಕೆಕ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಜಾಗೊ ನಾಂ". ನತಾಲಿಯಾನ್ ವಿನೋದಾಚೆಂ ಖೆಳ್ಕುಳಾಂ ಕರುನ್ ಪೊಲ್ಯಾಚೆರ್ ಕೀಸ್ ದೀವ್ನ್ ಅದೆವ್ಸ್ ಮಾಗ್ಲೊ.

ಡಿಸೆಂಬರ್ 22, 2016, ಬ್ರೆಸ್ತಾರ್ – 'ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್'

ರಾತ್ ನಮ್ಯಾರ್ಲ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾಚ್ಯಾ ಸಕಾಳಿಂಕ್ ರಾಕೊನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಬಸ್ಸ್ ಬೆಂಗ್ಳೂರ್‌ಚ್ಯಾ ವಾಟೆರ್ ವಾರ್ಯಾಕ್ ಚೆರ್ಸ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಪರಿಂ ಧಾಂವ್ತಾಲೆಂ.

ಡಿಸೆಂಬರಾಚೆಂ ಥಂಡ್ ವಾರೆಂ ದಾಟ ಜಾಕೆಟಿ ವರ್ವಿಂ ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ದೆಂವಯಿಲ್ಲ್ಯಾ

ವಿಸ್ಕೆನ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಊಬ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸೊಡ್ಲೆಂನಾಂ. ಫಕತ್ತ್ ದಿಶಾಚ್ಯಾ ಬಾವ್ಯಾಂಚಿ ಊಬ್ ಶಾಚ್ಯಾ ವೆಂಗೆಂತ್ಲೊ ಉಜೊ ಉದ್ವೇಗಾಚ್ಯಾ ಹುನ್ ಸ್ವಾಸ್ ವಿನೋದಾಚಿಂ ಲವಾಂ ಉಬಿ ಕರುಂಕ್ ಸಕ್ಲಿಂ. ಕುಡಿಚ್ಯಾ ಸುಖಾಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂನಿ ತಾಕಾ ಉದ್ರೇಕಿತ್ ಕೆಲೊ. ತಿ ರಾತ್ ನಾಂ ಫಕತ್ತ್ ತಾಕಾ ನೀದ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಸಕ್ಲಿನಾಂ. ತೆವ್ಳಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ದಿಶಾಕ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಜಾಗಿ ದವರ್ಲಿ.

'ಹಾಯ್' ದಿಶಾ *Online*ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

'ರಾಕೊನ್ ಆಸಾಂ ತುಕಾ' ದಿಶಾನ್ ಸಂದೇಶ್ ಧಾಡ್‌ಲ್ಲೊ.

'ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್' ಆನಿ ಥೊಡಿಂಚ್ ವೊರಾಂ ಬಾಕಿ. ವಿನೋದ್ ಆತುರಿತ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

'O Smily' ಸವೆಂ ಸಂಭಾಷಣ್ ಸಂಪ್ಲೆಂ.

22nd Dec 2016 ವೊರಾಂ ಮಧ್ಯಾನೆಚಿಂ 00:47 *hrs!!* ವಿಸ್ಕೆಚೆಂ ಅಮಾಲ್ ಅಜೂನ್ ಪುರ್ತೆಂ ದೆಂವೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ನೀದ್ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಲಾಗ್ಸಿಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲಿ ನಾಂ! ಸುಶೆಗ್ ಆಶೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಮತಿಕ್ ಎಕಾಚ್ಯಾಣೆ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ ಚಿಂತ್ನಾನಿಂ ರೆವೊಡ್ ಗಾಲುಂಕ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಕೆಲೆಂ.

ಘಡಿಯೆನ್‌ಂಚ್ ದಿಶಾಚೆಂ ಪಿಂತುರ್ ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ನಪಂಯ್ಸ್ ಜಾವ್ನ್ ಏಕ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಪಯ್ಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆವ್ನ್ ಮತಿ ಪಡ್ದ್ಯಾರ್ ಖಂಚ್ಲೊ!!

ನತಾಲಿಯಾ!!

ಕೊಶೆಡ್ಡ್ ಜಾಗೆಂ ಜಾಲೆಂ!!

ಕಸಲಿ ಚೂಕ್ ಹಾಂವ್ ಕರುನ್ ಆಸಾಂ?

ಕ್ಷಣಿಕ್ ಸುಖಾಕ್ ಕಿತ್ಲೆಂ ಮಹತ್ವ್ ದಿತಾಂ!?

ಜಿಣಿ ಭರ್ ಸಾಂಗಾತಾ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ ನತಾಲಿಯಾ ಸಂಗಿಂ ಖರ್ಚುಂಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಅಮೊಲಿಕ್ ವೆಳಾಕ್ ಪಾಟ್ ಕರುನ್ ಅನ್ನೈತಿಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜೊಡ್ತಾಂ!?

ತ್ಯಾ ಶೀತಲ್ ವಾರ್‍ಯಾಂತ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಕಪಾಲಾರ್ ಘಾಮಾಚೆ ಥೆಂಬೆ ಉದೆಲೆ.

ಘಟಿಂಚ್ಯಾ ಬುನ್ಯಾದೆರ್ ಕಾಜಾರಿ ಜಿವಿತ್ ಬಾಂಧುಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ನ್ ಆಸಾಂ?

ವಿನೋದಾಚೆಂ ಕೊಶೆಡ್ಡ್ ಜಾಗೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಮನಾಂತ್ಲಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಕುಡಿಚ್ಯಾ ಅಸ್ವಸ್ತ್ಕಾಯೆಕ್ ಪಾಟಿಂಬೊ ದಿತಾಲಿ ತರ್ ಏಕ್ ಬಳಾಧಿಕ್ ಆಂತರಿಕ್ ತಾಳೊ ನಿರಂತರ್ ಝುಜ್ ಮಾಂಡ್ತಾಲೊ.

ಅದೃಶ್ಯ್ ಸಕತ್ ಅಡ್ಕಳ್ ಹಾಡ್ತಾಲಿ ತರ್ ರಗ್ತಾ ಮಾಸಾಚಿ ಕೂಡ್ ವಾಟೊ ಕರುನ್ ಮುಕಾರ್ ವೆಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾಲಿ. ಬೆಂಗ್ಳುರ್ಚಿ ವಾಟ್ ಲಗ್ಬಗ್ ಅರ್ಧಿ ಸಂಪ್‌ಲ್ಲಿ!

ಕುಡಿಚ್ಯೊ ಗರ್ಜೊ ತಿರ್ಸುಂಕ್ ಬಸ್ಸ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ!!

ದಿಶಾ ರಕ್ಷಿತಾ ಶೆಟ್ಟಿ ಆನಿ ನತಾಲಿಯಾ ಗೋಮ್ಸ್!

ಮುಕಾರ್ ಯಾ ಪಾಟಿಂ!?

ಬೆಂಗ್ಳುರ್ ಥಾವ್ನ್ ಮಂಗ್ಳುರಾಕ್ ಪಾಟಿಂ ಯೆಂವ್ಚಿಂ ಬಸ್ಸಾಂ ತ್ಯಾಚ್ಚ್ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ರಾವ್ತಾಲಿಂ!

ನಾಂ!! ಹೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾಂ!!

ವಿನೋದಾನ್ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲ್ಲೊ!!

ಘೊಡ್ಯಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಸಕ್ಲಾ ಶೆವ್ಟಾಲ್ಲ್ಯಾ ಸಾವ್ಲಾಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ತಾಚಿ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಪರ್ತಾಲ್ಲ್ಯಾನ್!!

ತೊ ಪಾಟಿಂ ಯೇಂವ್ಕ್ ಆಶೆಲೊ.

ಜಿಣಿಭರ್ ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕಾಂತವ್ಣೆಕ್ ಭಿಂಯೆಲೊ ತೊ!

ತಾಚೆಂ ರಾಜಾಂವ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ದಿಸಾನಾ ತೆಂ ಕರುಂಕ್ ನಾಕಾ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ.

ಬಸ್ಸಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಸಕಯ್ಲಾ ದೆಂವ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ದಿಶಾ ಖಾತಿರ್ ಘೆತ್ಲ್ಲಿಂ *Gift* ಆಸ್ಲ್ಲಿಂ! ಮೊಲಾಧಿಕ್ ವಸ್ತು ತೆ.

'*Tissot*' ಸ್ತ್ರೀಯಾಂಚೆಂ ವೋಚ್. '*Gucci*' ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಪರ್ಫೂಮ್ ಆನಿ ಮೇಕಪ್ ಸೆಟ್!!

ಸರ್ವ್ ತಾಣೆಂ ಲಾಗ್ಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕಚ್ರ್ಯಾ ಡಬ್ಯಾಂತ್ ದೆಂವಯ್ಲೆಂ!!

ಜೆಂ ಕೊಣಾ ಖಾತಿರ್ ಘೆತ್ಲ್ಲೆಂ ತೆಂ ತಾಂಕಾ ಫಾವೊ ಜಾವ್ನಾ ತರ್ ತಾಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಮೋಲ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ನತಾಲಿಯಾಚ್ಯಾ ಅಂಗಾರ್ ತೆಂ ಸೊಭವ್ನ್ ದಿಶಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಜಿಮೊ ದವರುಂಕ್ ತೊ ತಯಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ನತಾಲಿಯಾಚ್ಯಾ ಕುಡಿಂತ್ ದಿಶಾಕ್ ಸೊಧ್ಚೆಂ ತಾಕಾ ನಾಕಾ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ!! ತಶೆಂಚ್ ತ್ಯೊ ಹೆರಾಂಕ್ ದೀವ್ನ್ ದಿಶಾಕ್ ಹೆರಾಂ ಬರಾಬರ್ ಕರುಂಕ್ ತಾಚ್ಯಾನ್ ಪುಟ್ಲೆಂ ನಾಂ.

'ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾಫ್ ಕರ್ ದಿಶಾ. ಮ್ಹಜೆ ವರ್ವಿಂ ಹೆಂ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾಂ' ಪಾಟಿಂ ಮಂಗುರ್ಚ್ಯಾ ಬಸ್ಸಾರ್ ಚಡ್ತಾನಾ ಪುಸ್ಪುಸ್ಲೊ ತೊ. ಬಸ್ಸಾನ್ ಮಂಗ್ಳುರ್ ತೆವಿಂ ವೇಗ್ ಆರಾಯ್ತಾನಾ ವಿನೋದಾಚೆಂ ಬರಾಧಿಕ್ ಕಾಳಿಜ್ ಹಾಳೂ ಜಾಲೆಂ.

ತೊ ಸಂತೊಸಾನ್ ಭರ್ಲ್ಲೊ!!

ತೊ ಹಳೂ ಜಾಲೊ. ತಾಚೆಂ ವೊಜೆಂ ಮೆಕ್ಳೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಸಂತೊಸಾಂತ್ ತೊ ದುಸ್ರೆಂ ಕಿತೆಂಚ್ ಆಶೆಲೊ ನಾಂ. ಫಕತ್ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಸರ್ಪ್ರೈಸ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಸೊಡ್ನ್!

22 ಡಿಸೆಂಬರ್ 2016, ಸಕಾಳಿಂಚಿಂ 06:43 ಜಾಲ್ಲಿಂ...

ಮಂಗ್ಳೂರಾಂತ್ ದೆಂವ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವಿನೋದಾನ್ ಶಾಂತಿನಗರ ರೆತಿರ್ ಮಂದಿರಾಚಿ ವಾಟ್ ಧರ್ಲಿ.

ಆನಿ ತೊ ಸಾಕ್ರ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಪಾವ್ಲ್ಲೊ...

ಲಗ್ನಾಗ್ ಹಜಾರಾ ಲಾಗಿಂ ಲೋಕ್ ಪಿಪಿಧ್ ಗರ್ಜಾಂ ಖಾತಿರ್ ಮಾಗ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಜಮ್ಲ್ಲೊ. ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಸೊಧ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್ ದೊಳೆ ಘೊಂವ್ಡಾಯ್ಲೆ ತರೀ ತೊ ಆಮ್ಕಾರ್ಲೊ ನಾಂ.

ಆಲ್ತಾರಿ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಖುರ್ಸಾಚ್ಯಾ ತಕ್ಲೆರ್ ಮಂದ್ ದಿವ್ಯಾ ಪಂದಾ ಅರ್ಥ್ಯಾ ವೃತ್ತಾಕಾರಾಚೆರ್ 'ಹಾಂವ್ ತಾನೆಲಾಂ' ಮ್ಹಣ್ ಬರಯಿಲ್ಲೆಂ. ಲಾಯಿಕಾಚಿ ಶಿಕವ್ಣ್ ಮುಗ್ದಾಲ್ಲಿ...

ಕಾಫಿ ಫ್ಟಳಾರಾಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ಸೊಧ್ಲೆಂ! ಮೆಳ್ಳೆಂ ನಾಂ. ದನ್ಪಾರಾಂ ಜೆವ್ಣಾಚ್ಯಾ ವೆಳಾರೀ ಝುಳಕ್ ಮೆಳ್ಳಿ ನಾಂ...

05:13 ವೊರಾರ್ ರೆತಿರ್ ಸಂಪ್ಲ್ಲಿ...

ದಿಸಾಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ನತಲಿಯಾಚ್ಯಾ ಮೊಬಾಯ್ಲಾಕ್ ಸಂಪರ್ಕ್ ಕೆಲ್ಲೆ ತವಳ್ ಬಂಧ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಸಂದೇಶ್ ಯೆತಾಲೊ.

ನತಾಲಿಯಾಚ್ಯಾ ಮಮ್ಮಿಕ್ ಫೋನ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಶಾಂತಿನಗರ ರೆತಿರೆಕ್ ಗೆಲ್ಲೆಂ ಖಚಿತ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ಲೊಕಾನಿಂ ರಸ್ತ್ಯಾಕ್ ದೆಂವ್ಚೆ ಆದಿಂ ವಿನೋದ್ ಗೇಟಿ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಪಡ್ಲೊ.

ಮುಖಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಸ್ ಸ್ಟೋಪಾಂತ ನತಾಲಿಯಾಕ್ ರಾಕೊನ್ ರಾವ್ಲೊ. 15 ಮಿನುಟಾಂನಿ ಸರ್ವ್ ಲೋಕ್ ಆಪ್ಲಿ ವಾಟ್ ಧರುನ್ ಗೆಲ್ಲೊ ತರೀ ನತಾಲಿಯಾ ದಿಸ್ಲೆಂ ನಾಂ. ವಿನೋದ್ ಎಕ್ಸುರೊಚ್ಚ್ ಉರ್ಲೊ.

ನತಾಲಿಯಾಚೊ ಫೋನ್ ಚಾಲು ಜಾಲ್ಲೊ.

ಹಾಯ್ ನತಾಲಿಯಾ ಖಂಯ್ ಆಸಾಯ್ ತುಂ? ವಿನೋದ್ ಸಂಪುರ್ಣ್‌ಗಾಬ್ರೆವ್ನ್‌ಗೆಲ್ಲೊ.

ಹಾಯ್ ವಿನೋದ್ ತುಜೆಂ ಕಾಮ್ ಜಾಲೆಂಗೀ? ಕೆದಾಳಾ ಪಾಟಂ ಯೆತಾಯ್?

ಖಂಯ್ ಆಸಾಯ್ ತುಂ!? ವಿನೋದಾನ್ ಜವಾಬಿ ಬದ್ಲಾಕ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ವಿಚಾರ್ಲೆಂ.

"ರೆತಿರೆ ಥಾವ್ನ್ ಘರಾ ವೆತೆ ಆಸಾಂ. ಆತಾಂ ರೆತಿರ್ ಮಂದಿರಾಚ್ಯಾ ಗೇಟಿ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಬಸ್ ಸ್ಟೋಪಾಂತ್ ಆಸಾಂ." ನತಾಲಿಯಾಚಿ ಜವಾಬ್ ಆಯ್ಕೊನ್ ವಿನೋದಾನ್ ಭೊಂವ್ತಣಿ ಪಳೆಲೆಂ. ಎಕ್ಸುರೊ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಕೊಣ್‌ಚ್ಚ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿಂ.

"ಖಂಯ್ಸರ್?" ವಿನೋದಾನ್ ಅಜ್ಯಾಪಾನ್ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ತೆಂಚ್ ಸವಾಲ್. ನತಾಲಿಯಾಚಿ ಪರತ್ ತಿಚ್ಚ್ ಜವಾಬ್!!!

ವಿನೋದ್, ಹಾಂಗಾಸರ್ *LIC*ಚೊ ಏಕ್ ವ್ಹಡ್ ಬೋರ್ಡ್ ಆಸಾ. ತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಮೋಡೆಲಾಕ್ ಪಳೆತಾನಾ ತುಜೊಚ್ಚ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಯೆತಾ. ಪಳೆಂವ್ಕ ತುಜೆ ಬರಿಂಚ್ ಆಸಾ. ತಾಚೆ ಸಕಯ್ಲ್ ಅಶೆಂ ಬರಯ್ಲಾಂ. 'ಜಿಂದಗಿ ಕೆ ಸಾಥ್ ಬೀ. ಜಿಂದಗೀ ಕೆ ಬಾದ್ ಜೀ'. ತೆವಿನ್ ಥಾವ್ನ್ ವಿನೋದಾಕ್ ನತಾಲಿಯಾಚೊ ಮಧುರ್ ತಾಳೊ ಆಯ್ಕಾತಾಲೊ.

ದೋನ್ ಮೆಟಾಂ ಭಾಯ್ರ್ ಯೇವ್ನ್ ತಾಣಂ ಜಯ್ತ್ ಬೋರ್ಡಾಚೆರ್ ನದರ್ ಮಾರ್ಲಿ.

ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ನತಾಲಿಯಾನ್ ಸತ್ ಉಚಾರ್ಲ್ಲೆಂ.

ಪುಣ್‌ತಾಚೆ ಮುಳಿಂ ಆಸಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಫಟ್ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ. ವಿನೋದಾಚೊ ದುಬಾವ್ ಬಳ್

ಜಾಲೊ!!

'ನತಾಲಿಯಾ, ಎಕ್ ಸೆಲ್ಫಿ ಕಾಡುನ್ ಧಾಡ್' ಸಾರ್ಕೊ ತೀರ್ ಮಾರ್ಲ್ಲೊ ತಾಣೆಂ.

'*Oh No*' ಮ್ಹಜೊ ಮೊಬಾಯ್ಲಾ ಬ್ಯಾಟ್ರಿ ಕಾಬಾರ್ ಜಾಲಿ.

ಘಡಿಯೆಂಚ್ ನತಾಲಿಯಾಚೊ ಫೋನ್ ಬಂಧ್ ಜಾಲೊ!

ವಿನೋದ್ ವಿಜ್ಮಿತ್ ಜಾವ್ನ್ 15 ಮಿನುಟಾಂ ಥಂಯ್ಸರ್ ಬಸ್ಲೊ.

ಘಡಿಯೆಂಚ್ ನತಾಲಿಯಾಚೊ ಮೊಬಾಯ್ಲ್ *ON* ಜಾಲೊ.

Online ಘಡಿಯೆಂಚ್ *Offline*...

ಜಿವೆ ಜಿವೆ ಘಟಿಂ! ನತಾಲಿಯಾ ಅಪಾಲಿಪಾ ಖೆಳ್ತಾಲೆಂ. ಫಕತ್ತ್ ಮೊಬಾಯ್ಲಾರ್ ಮಾತ್ರ್ ನಹಿಂ ವಿನೋದಾಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆ ಸಂಗಿಂ. ನತಾಲಿಯಾ ರೆತಿರೆಚ್ಯಾ ನಾಂವಾರ್ ಖಂಯ್ಸರ್ ಗೆಲಾಂ?

ಪಾಸ್‌ಪೊರ್ಟಾಚ್ಯಾ ನಾಂವಾರ್ ಹಾವೆಂ ಬೆಂಗ್ಳೂರ್ ಗೆಲ್ಲೆಬರಿಂ?

ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್!? ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್! ಸೆಟ್ಟಿಂಗ್!!

ಕಾಳೊಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾನಾ ಪ್ರಕಾಶಿತ್ ಟ್ಯೂಬ್ ಲಾಯ್ಟ್ ಮುಳಾಂತ್ ರೆತಿರ್ ಮಂದಿರಾಚ್ಯಾ ದರ್ವಾಟ್ಯಾರ್ ಉಬೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಜಯ್ತ್ ಜೆಜುಚೆಂ ಪಿಂತುರ್ ಹಾತ್ ಉಸವ್ನ್ ಉಬೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತಾಚೆ ವಯ್ರ್ ಬರವ್ನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ವಿನೋದಾನ್ ವಾಚ್ಲೆಂ. 'ಅಪಯ್ಲೆಂ ಸಬಾರಾಂಕ್‌ಪುಣ್ ವಿಂಚ್ಲಾಂಥೊಡ್ಯಾಂಕ್‌ಚ್' ವಿನೋದಾನ್ ಪಾವ್ಲಾಂ ಕಾಡ್ಲಿಂ. ಖಂಯ್ಸರ್ ತೊ ನೆಣಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

*** – ****

(ಪಯ್ಲಾರಿ, 2018)

ಕಾಂಟೊ ಆನಿ ಫುಲ್

ಮ್ಹಜೆ ತೆ ದೊಳೆ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ದೊರಗ್ ವೊಣ್ತಿಚೆರ್ ಚರ್‍ತಾಲೆ, ಮ್ಹಜಿ ಕೂಡ್ ಸರಳಾಂ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಬಂಧಿತ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲಿ, ತೆ ಮ್ಹಜೆ ರಸ್ಮಾಳ್ ಕೇಸ್ ಕಾಂಟ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಬಲ್ಯಾ ಬರಿ ಜಾವ್ನ್ ಪಾಟಿಚೆರ್ ಆಕ್ರಮಣ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಬರಿ ದಿಸ್ತಾಲೆ. ಮ್ಹಜೆಂ ತೆಂ ಸೊಭಿತ್ ಮುಖಮಳ್ ಆಜ್ ನಿಸ್ತೇಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಬಂಧಿತ್ ಸರಳಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ತಿಳ್ತಾಲೆಂ. ಕೀರಾಚ್ಯಾ ಘುಡಾಂತ್ ಕೀರಾನ್ ಬೋಂಚ್ ಭಾಯ್ರ್ ಘಾಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ. ಆನಿ ತೆಂ ಮ್ಹಜೆ ಹಾತ್ ವಾಲಿನ್ ರುಕಾಚೊ ಆಸ್ರೊ ಸೊಧ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ತ್ಯಾ ಸರಳಾಂಚೆರ್ ಉಮ್ಕಾಳ್ತಾಲೆ. ವ್ಹಯ್! ಆಜ್ ಹಾಂವ್ ಬಂಧೆಂತ್ಲಿ ಮೃಗ್! ಜೈಲಾಂತ್ಲಿ ಬಂಧಿವಾನ್! ಸಮಾಜೆನ್ ಬಹಿಷ್ಕಾರ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಸ್ತ್ರೀ! ಮತಿಭ್ರಷ್ಟ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಪಿಶೆಂ...

22 ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಹಾಂವೆಂ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಚೆರ್ ಜಲ್ಮ್ ಘೆತ್ಲೊ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹಾಂವೆಂ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ಲೆಂ ಕೊಡು-ಗೋಡ್ ಅನುಭವ್ಲಿಲೆಂ ಏಕಾ ಖೆಳಾ ಬರಿ ಆನಿ ತ್ಯಾ ಖೆಳಾಂತ್ ಪ್ರಾಮುಖ್ಯ್ ಚಾರ್ ಖೊಲೆ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ತೆ ಕೆದಿಂಚ್ ವಿಸ್ರೊಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯೆಚೆರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆವಯ್ಚೆಂ ಮರಣ್! ದುಸ್ರೆಂ-ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ತಿ ಕ್ಯಾನ್ಸರಾಚಿ ಪಿಡಾ! ಆನಿ ತಾಚೆ ಸಂಗಿಂ ತಾಚಿ ಕಷ್ಟಾಂಚಿ ಚಾಕ್ರಿ! ತಿಸ್ರೆಂ-ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚೆಂ ಬೆಬ್ದೆಪಣ್! ಕ್ರೂರತಾ-ಅಸಹ್ಯ್ ವಾತಾವರಣ್!

ಆನಿ ಆಖ್ರೇಚೆಂ ತೆಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಜೀವನ್ ಸಂಸಾರಿಕ್ ವೊಡ್ಡ್ಯಾಂ ತೆವ್ಳಿಂ ಮಾಲ್ವಾಲ್ಲೆಂ ಸ್ವತಂತ್ರ್‌ಪಣ್!

ಹೆ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆ ಖೊಲೆ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಚ್ಯಾ ಖೆಳಾಚೆ! ವ್ಹಯ್ ಹೆಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಜುಗಾರ್ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಜುಗಾರೆಂತ್ ಹಾಂವೆ ಜಿಕಾಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ಚಾರ್ ಅನಿಷ್ಟ್ ಖೊಲ್ಯಾಂ ಥಂಯ್ ಹಾವೆಂ ಜಿಕೊಂಕ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ! ಆನಿ ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ಖೆಳ್ತಾಲಿಂ ಜಯ್ತಾಚ್ಯಾ ವಾಟೆರ್... ಆನಿ ಹೆಂ ಜಯ್ತ್ ಮೆಳಾತ್ ತರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಫಕತ್ ಏಕ್ ನಿರ್ಮಳ್ ಜಿವಿತ್! ನಹಿಂ ತರ್ ದುಃಖಾಚೆಂ ಯೆಮ್ಕೊಂಡ್! ಹೊ ಖೆಳ್ ಖೆಳಾಜಾಯ್ ಜಾಲ್ಲೊ ಸಮಾಜೆ ವಿರೋಧ್! ಮ್ಹಜ್ಯ ಜಲ್ಮ್‌ದಾತಾರಾ ವಿರೋಧ್! ಆನಿ ಸ್ವತಾಚ್ಯಾ ಕೊಶೆಡ್ಡಾ ವಿರೋಧ್! ಫಕತ್ ಏಕ್ ನಿರ್ಭಾಗಿ-ಅಬಲ್ ಸ್ತ್ರೀ ಜಾವ್ನ್!

ಮ್ಹಜೊ ಬಾಪಯ್ ಜಾವ್ನಸ್‌ಲ್ಲೊ ಏಕ್ ಕ್ರೂರ್ ಕಾಂಟೊ. ಖಂಚ್ಯಾ ಘಡಿಯೆ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಾಂಯ್ನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಆದೇವ್ಸ್ ಮಾಗ್ಲೊ, ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಜಾಲಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಆನಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಕ್ಯಾನ್ಸರಾಚಿಂ ಮುಳಾಂ ಉದೆಂವ್ಕ್, ಆನಿ ಇತ್ಲೊ ಸಮಾಧಾನಿ ಮನಿಸ್ ತೊಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ, ಪುಣ್‌ಆತಾಂ ಮತಿಂತ್ ಉಚಾಂಬಳ್ ಜಾಲೊ. ದೆದೆಸ್ಸಾರ್ ಜಾಲೊ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ರಾತ್ ಆನಿ ದೀಸ್ ಹಾಂವ್ ಚಾಕ್ರಿ ಕರ್ತಾಲಿಂ. ಅಖ್ರೇಕ್ ತಾಕಾ ದೂಕ್ ಸೊಸುಂಕ್ ತಾಂಕಾನಾಸ್ತಾನಾ ತಾಣೆ ಸೊರ್ಯಾಚೊ ಆಸ್ರೊ ಸೊಧ್ಲೊ! ಕ್ಯಾನ್ಸರ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಮಹಾನ್ ಪಿಡೆಚ್ಯಾ ಪಾಳಾಂಕ್ ಸೊರೊ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ವಿಕಾಳ್ ಸಾರ್ ಭರ್ಸಾತಾನಾ ಕ್ರೋಧ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಫಳಾನ್ ಜಲ್ಮ್ ಘೆತ್ಲೊ. ಮಾಯ್ನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಕ್ ಸಾಂಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ಹಾಂವ್ ತಾಚ್ಯಾ ಕ್ರೋಧಾಕ್ ಉಂಡಿ ಜಾಲಿಂ.

ದುಡು ಜಾಯ್ತೊ ಆಸ್ಲ್ಯಾರಿ, ಹಾಂವೆಂ ರಾತಿಂ 12 ವೊರಾಂ ಪರ್ಯಾಂತ್ ತಾಚಿ ಚಾಕ್ರಿ ಕರಿಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ, ಕಾರಣ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಹಾಂವೆಂ ಮಾರ್ ಖಾಂವ್ಕ್ ಪಡ್ತಾಲೆ. ಆನಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ

ಪಾಟಿರ್ ಉದೆಲ್ಲ್ಯಾ. ತ್ಯಾ ಮಾರಾಂಚ್ಯಾ ಘಾಯಾಂಕ್ ತೇಲ್ ರಗ್ಡುಂಕ್ ಕೋಣ್‌ಂಚ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆ. ತಾಚೆ ತೆ ಬೆಬ್ದೆ ಈಷ್ಟ್ ಸದಾಂಚ್ ರಾತ್‌ಭರ್ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಲೊಳ್ತಾಲೆ. ತಾಂಕಾಂ ವಿಚಾರ್ತಲೊ ನಾತ್ಲ್ಲೊ! ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಬಿಡಾರ್ ಸೊರ್‍ಯಾಚೊ ಅಡ್ಡೊ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೆಂ. ಲಡಾಯೆಚೆಂ ಮೈದಾನ್. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತಸಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಸ್ತ್ರೀಯೆನ್ ರಾವೊಂಕ್ ಸಾಧ್ಯ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ಚಿಂತಾಲಿಂ ಎಕ್‌ಚ್ಯ್ ಹೆಂ ಘರ್ ಸೊಡಿಜಾಯ್. ನಹಿಂ ತರ್ ತಾಕಾ ಭ್ಹಾಯ್ ಫಾಲಿಜಾಯ್! ವಿಚಿತ್ ಹಿ ಮಾಂಡ್ಣಿ! ತ್ಯಾ ದೆವಾಚಿಂ ರಚ್ನಾಂ ಆಜ್ ಎಕಾಮೆಕಾಕ್ ವಿರೋಧ್! ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಧುವ್ ಆನಿ ಬಾಪಯ್ ಧುವೆಕ್!

'ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್? ಆಜ್ ತುಂ ಸೊಡ್ನ್ ವೆಶಿ ತರ್ ಫಾಲ್ಯಾಂ ತುಜೆಂ ಹೆಂ ಮೊಗಾಳ್ ಬಿಡಾರ್ ಉರ್ಚೆಂ ನಾ, ಹೆಂ ಘರ್ ಸೊರ್‍ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಅಡವ್ ದವರಿಜಯ್ ಪಡ್ತೆಲೆಂ, ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತುಂ ಪಳೆತಾಯ್? ತ್ ಕಾಂಟ್ರಾಕ್‌ಚ್ ತುಂ ಪಯ್ಸ್ ಕರ್. ಮ್ಹಣ್ಜೆ ತಾಚಿ ಖುನಿ ಕರ್ ಆನಿ ತವಳ್ ಮುಗ್ದಾತೆಲಿ ತಿ ಕರಂದಾಯ್. ಅಶೆಂ ತುಜೆಂ ಜಿವಿತ್ ಸುಫಳ್ ಕರ್' ಮ್ಹಜೆಂ ಅಂತಸ್ಕರ್ಣ್ ಜಾಗಯ್ತಾಲೆಂ. ಆನಿ ಹಾಕಾ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಅಸ್ವಸ್ತ್ ಸಂಯ್ಭ್ ತಿಂಚ್ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಆಟಯ್ತಾಲೆಂ–ಖುನಿಯೆಚಿಂ!

ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಖುನ್ ಧುವೆ ಥಾವ್ನ್!?

ಕಠೋರ್ ಚಿಂತ್ನಾಂ!

ಆನಿ ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾವೆಂ ಏಕ್ ಬರಿ ಘಡಿ ಸೊದಿಜಯ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ತಿ ತ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚಿ! ಜನೆರಾಚಿ ಏಕ್ ತಾರಿಕ್! ತಿ ರಾತ್...!

ಆನಿ ತೊ ಡ್ಯಾನಿ ಡಿ'ಮೆಲ್ಲೊ! ಮ್ಹಜೊ ನಷ್ಟೊ ಡ್ಯಾಡಿ. ತಾಣೆ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವಳ್ವಳ್ಯಾಂಚೊ, ಸೊರ್‍ಯಾಚೊ ಕೋಧ್ ವೊತ್ಲ್ಲೊ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಧುವೆಚೆರ್. ಕೂರ್ ವಿಕಾಳ್ ಜಿವಾಳ್ ತಿ. ಲೊಕಾನ್ ತಾಕಾ ಜಾಯ್ತೆಂ ಸಮ್ಜಾಯಿಲ್ಲೆಂ. ತಾಚ್ಯಾ ನಡ್ತ್ಯಾಕ್ ಸರ್ವ್ ಖೆಂಡ್ತಾಲೆ. ಥೊಡೆ ತಾಕಾ ಧಮ್ಕಿತಾಲೆ. ತಾಣೆ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಧುವೆಕ್ ಕಷ್ಟುಂಚ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಸರ್ವ್ ಲೋಕ್ ಬೊಬಾಟ್ತಾಲೊ. ಆನಿ ಹೆಂ ಸರ್ವ್ ತಾಣೆಂ ಆಪ್ಣಾಲಾಗಿಂಚ್ ಸವಾಲ್ ಉಡಯ್ಲೆಂ. ಹಾಕಾ ಪರಿಹಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ ಏಕ್‌ಚ್–ತಾಣೆಂ ಸೊರ್‍ಯಾಕ್ ಸಾಂಗಾತ್ ಸೊಡುನ್ ಧುವೆಕಡೆನ್ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಚಲ್ಚೆಂ, ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ತೊ ಭೊಗ್ಸಾಣೆ ಮಾಗೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ನವ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚೊ ದೀಸ್ ತೊ. ಕ್ರೀಸ್ತಾಂವಾಂಕ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ ದೀಸ್. ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂನಿ ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ನವೆ ನಿಚೆವ್ ಕರ್ನ್ ತ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂತ್ ತೆ ಪಾಳುಂಕ್ ಪಯತ್ನ್ ಕರ್ಚೆಂ ಜಾಯ್ತ್ಯಾಂಕ್ ಏಕ್ ಸವಯ್. ಆನಿ ಡ್ಯಾನಿ ಡಿಮೆಲ್ಲೊ... ಮ್ಹಜೊ ಡ್ಯಾಡಿ.... ತಾಣೆ ನಿಚೆವ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚೊ. ತೊ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ ಸೊರ್‍ಯಾಚಿ ಸವಯ್ ಸೊಡ್ನ್ ಧುವೆ ಕಡೆನ್ ಬರ್‍ಯಾನ್ ಚಲ್ಚೊ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ನಿಚೆವಾಕ್ ಬುನ್ಯಾದ್ ಗಾಲುಂಕ್ ತಾಣೆ ಬಾಕಿ ದವರ್ಲ್ಲಿ ತಿ ನವ್ಯಾ ವರ್ಸಾಚಿ ರಾತ್...!

ಆನಿ ತಿ ರಾತ್ ಉದೆಲಿ! ಜನೆರಾಚಿ ಏಕ್ ತಾರೀಕ್!

ಹೊ ದೀಸ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ದೊಗಾಂ ಮಧ್ಲೊ ವಿಶಿಷ್ಟ್ ದಿವಸ್! ದೋನ್ ರಚ್ನಾಂಚಿ ದೋನ್ ಕಾಮಾಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿಂ ಎಕಾಚ್ ಘಡಿಯೆ. ಎಕಾಚ್ ಘರಾಂತ್! ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಬಾಪಯ್ ಧುವೆ ಕಡೆನ್ ಭೊಗ್ಸಾಣೆ ಮಾಗ್ಚ್ಯಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ ಆನಿ ಧುವ್ ಬಾಪಾಯ್ಚ್ಯಾ ಖುನಿಯೆಚ್ಯಾ ಮಾಂಡಾವಳಿರ್... ವಿಚಿತ್ ದೆವಾಚೆಂ ನಿರ್ಮೊಣೆಂ...

ಆನಿ ತೊ ದೀಸ್ ಬುಡ್ಲೊ! ಅಬ್ಬೈ ತಿ ಘಡಿ ಲಾಗಿಂ ಜಾಲಿ...

ಆತಾಂ ಹಾಂವೆಂ ಎಕಾ ಕಾಂಟ್ಯಾಕ್ ಪಯ್ಸ್ ಕರುಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ! ದಿನಚರಿ ಪ್ರಕಾರ್ ಹಾಂವ್ ಡ್ಯಾಡಿಕ್ ದೂದ್ ವರ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ತಾಲಿಂ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಹಾಂವ್ ವಿಕಾಳ್ ದೂದಾಚೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಘೆವ್ನ್ ತ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಪ್ರವೇಶ್ ಜಾಲಿಂ. ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಚಿ ಉಡಿ ಧೊಲ್ ಬಡಯ್ಲ್ಯಾ ಬರಿ ಉಡ್ತಾಲಿ! ಆನಿ ತ್ಯಾ ಸಮಯೆ ಮ್ಹಜ್ಯ ಪಾಯಾಂಚೊ ಆವಾಜ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕದ್ವಳ್ಳೆಲ್ಯಾ ಶಿಂತಿದಾಕ್ ಭಾಲಿಯೆನ್ ತೊಪ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ. ಮ್ಹಜಿ ಲಾಂಬ್ ಪಾಂತಿ ಥಂಡಾಯೆಚ್ಯಾ ಪಾಟಿರ್ ಉಬ್ ಸ್ಪರ್ಶ್ ದಿತಾಲಿ. ತ್ಯಾ ಗ್ಲಾಸಾಂತ್ಲೆಂ ವಿಕಾಳ್ ದೂದ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ತಾಲೆಂ.

ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಗ್ಲಾಸ್ ದವರ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಯಾಂತ್ರಿಕ್ ಥರಾನ್. ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾನ್ ಅರ್ಧೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಖಾಲಿ ಜಾವ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ತಾನಾ ಜಾಲ್ಲೊ ತೊ ಆವಾಜ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೊ. ಹಾಂವೆಂ ಚಿಂತ್ಲೆಂ ಅರ್ಧೆಂ ವೀಕ್ ಅನ್ಕಿಟೆಂತ್ ಚರ್‍ಲೆಂ ಮ್ಹಣ್... ಆನಿ ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಪಯ್ಲೊ ಆವಾಜ್ ಜಾಲೊ ಆನಿ ಹಾಂವ್ ದಡ್ಡಡ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾನ್ ಚಮ್ಕಾಲಿಂ. ಭಿಂಯಚ್ಯಾ ನದ್ರೆನ್... ಆನಿ ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತಾಣೆಂ ಪ್ರಾರಂಭ್ ಕೆಲೆಂ– "ಪುತಾ. ಹಾಂವೆಂ ತುಕಾ ಮಸ್ತ್ ಕಷ್ಟ್-ದಗ್ದೊವ್ಳಿ ದಿಲ್ಯಾ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ಪುಣ್ ಆನಿ ಮುಕಾರ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂಚ್ ಕರ್ಚೊಂ ನಾಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್. ಆಜ್ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಸೊರ್ಯಾಚೊ ಸಾಂಗಾತ್ ಸೊಡ್ನ್ ಪಾಡ್ ಇಷ್ಟಾಗತಿ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ರಾವ್ತೊಲೊಂ. ಹಾಂವೆಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಚುಕಿಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ಸ್" ಮ್ಹಣೊನ್ ತೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್ ಧರ್ನ್ ರಡ್ಲೊ!

ಕಿತೆಂ ಭಗ್ಲೆಂ ನಾ ತವಳ್ ಮ್ಹಾಕಾ? "ಹಾಯ್ ದೆವಾ! ಹಾವೆಂ ಚಿಂತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಿತೆಂ? ಆನಿ ಆತಾಂ ಜಾಲಾಂ ಕಿತೆಂ? ಹಾವೆಂ ತ್ಯಾ ಕಾಂಟ್ಯಾಕ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲೆಂ! ಆನಿ ತುವೆಂ ತೊಚ್ ಕಾಂಟೊ ಫುಲ್ ಕೆಲೆಂಯ್!' ಹಾವೆಂ ಉಮಾಳೊನ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ದುಃಖಾ ಭರಿತ್ ಚಿಂತ್ಪಾಂಕ್ ದಾಂಬುನ್ ಧರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲೆಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆ ವೊಂಟ್ ಕಾಂಪ್ತಾಲೆ. ದೊಳ್ಯಾಂನಿ ದುಃಖಾಂ ನಿರಂತರ್ ದೆಂವ್ತಾಲಿಂ! ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಹಾಂವೆಂ ತ್ಯಾ ವಿಕಾಳ್ ಗ್ಲಾಸಾ ತೆವ್ಶಿಂ ಚೊಯ್ಲೆಂ ತ್ಯಾ ನಿಸ್ತೇಜ್ ದೊಳ್ಯಾಂನಿ. ತೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಎದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಅರ್ಧೊ ಖಾಲಿ ಜಾಲ್ಲೊ. ತೆಂ ಕೂಡ್ ಗುಂವ್ತಾ ತಶೆಂ ಭಾಸ್ ಜಾಲೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ತೊ ಪ್ರಕಾಸ್ಭರಿತ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಮಂದ್ ಜಾತೇ ಆಯಿಲ್ಲೊ.

"ಡ್ಯಾಡಿ ತೆಂ ದೂದ್... ತುಂ... ಮುಖಾರ್ಸುಂಕ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಜಾಲೆಂ ನಾ. ಹಾಂವ್ ಧರ್ನಿರ್ ಕೊಸಾಳ್ತಾನಾ ಲಾಗಿಂಚ್ ಎಕಾ ಕದೆಲಾರ್ ಪರ್ತಾಲಿಂ, ಆನಿ ತೊ ಉಲಯ್ತ್ ವೆತಾಲೊ..... 'ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿವಾಂತ್ ಆಟೆವಿಟೆ ಭಗ್ತಾತ್ ಪುತಾ. ಆನಿ ಚಡ್ ತೇಂಪ್ ಹಾಂವ್ ವಾಂಚಾನಾ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿವಾಂತ್ ಕಿತೆಂಗೀ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಜಾಲ್ಯಾ. ಮ್ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತುಂ ಬೆಜಾರಾಯ್ ಕರಿನಾಕಾ. ತುಂ ಸುಖಾನ್ ಜಿಯೆ...' ಮ್ಹಣ್ ತಾಣೆಂ ಪರ್ತ್ಯಾನ್ ಅರ್ಧೊ ಗ್ಲಾಸ್ ಖಾಲಿ ಕೆಲೊ. ಮ್ಹಜೆ ಕಾನ್ ಆಯ್ಕಾತಾಲೆ ತಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜಿ ಮತ್ ಎದೊಳ್‌ಚ್ ಚುಕ್‌ಲ್ಲಿ... ಆನಿ ಕಿತ್ಲೊ ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲಾ ತೆಂ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾಂ.

ಮ್ಹಾಕಾ ಜಾಗ್ ಜಾತಾನಾ–ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಕೂಡ್ ಧರ್ನಿರ್ ವಿಶೆವ್ ಘೆತಾಲಿ... ಅತ್ಮೊ ಉಬ್‌ಲ್ಲೊ! ಆನಿ ತೊ ವಿಕಾಳ್ ಗ್ಲಾಸ್ ಮೆಜಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಪಡೊನ್ ಚೂರಾನ್ ಚೂರ್ ಜಾಲ್ಲೊ! ಆನಿ ತೆಂ ವಿಕಾಳ್ ದೂದ್ ಥೆಂಬ್ಯಾ ರುಪಿಂ ಧರ್ನಿರ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ತಾಲೆಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತಾಣೆಂ ಆಪ್ಲೆಂ ಕರ್ತವ್ಯ್ ಪಾಳ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ತೊ ಗ್ಲಾಸ್..... ಸದಾಂ ಉಪಯೋಗ್ಸುಂಚ್ಯಾ ಧನ್ಯಾಚ್ಯಾ

ಮರ್ನಾಂತ್ ಆಪುಣ್ ಭಾಗಿದಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ದಾಖಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಘುಟ್‌ಲ್ಲೊ! ಚೂರ್-ಚೂರ್... ಎಕಾಚೆ ದೋನ್... ದೊನಾಂಚೆ ಚಾರ್ ಆನಿ ಚಾರಾಂಚೆ ಆಟ್...

ಆನಿ... ತೊ...

ವಿಕಾಳ್ ಕಾಂಟೊ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ! ಆನಿ ತೊ ಕಾಂಟೊ ಕಾಡುಂಕ್ ಹಾವೆಂ ಆನ್ಯೇಕ್ ವಿಕಾಳ್ ಕಾಂಟೊ ರಚ್‌ಲ್ಲೊ! ತೊಚ್ ತೊ ಶಿಂತ್ರ್ಯಾಳೊ, ಖೊಟೊ, ಖುನಿಯೆಚೊ.. ಆನಿ ಕಾಂಟೊ ಕಾಂಟ್ಯಾನ್‌ಚ್ ಕಾಡಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಸ್ತಾನಾ... ತೊಚ್ ಕಾಂಟೊ ಘುಲ್ ಜಾಲೆಂ ಆನಿ ತ್ಯಾ ಘುಲಾನ್ ಕಾಂಟ್ಯಾಚೆರ್ ಜಯ್ತ್ ವ್ಹೆಲೆಂ... ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮರ್ನಾನ್!

ಆನಿ ಹಾಂವ್... ಆಜ್ ಅಪ್ರಾಧಿಣ್... ಖುನಿಗಾರ್ನ್.... ಆನಿ ಹಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಉದೆತಾನಾ ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಚರ್ತಾಲಿ ತ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ದೊರಗ್ ವೊಣ್ತಿಚೆರ್....

*** – ***

(ಕಾಣಿಕ್, 1987)

ರೋನಿ ಮೊಂತೇರೊ, ಕಟಪಾಡಿ

ತೊ ವೀಲ್...

ರಾತ್ ತಿ ಅಮಾಸೆಚಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲಿ. ಗಂಭೀರ್ ವಾತಾವರಣ್. ಹಾಂವ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ರೂಮಾಂತ್ ಬಸೊನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊಂ. ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಅಂತಸ್ತೆರ್ ತೆಂ ರೂಮ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ತ್ಯಾ ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾಚೆರ್ ಚರ್ಲಿ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೀಕ್ಷ್ಣ್ ದಿಷ್ಟಿಕ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಝುಳ್ಕಾಲೆಂನಾ. ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ವಾಹನ್ ಸಂಚಾರ್ ಪಾತಳ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ. ಅಪ್ರೂಪ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವಾಹನಾಂಚೊ ಉಜ್ವಾಡ್ ಜನೆಲಾಚ್ಯಾ ವೆಂಟಲೇಟರಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ತಾಲೊ. ತ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಘುಟ್‍ಲ್ಲೆ ಘಾಮಾಚೆ ಥೆಂಬೆ ಮೊತಿಯಾಂಬರಿ ಪರ್ಜಳ್ತಾಲೆ... ಆಪ್ಸೆಂಚ್ ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಹಾತಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವಾಚಾಚೆರ್ ಪಡ್ಲಿ. ವರಾಂ ರಾತಿಚಿಂ 12:03 ಜಾಲ್ಲಿಂ.

ವ್ಹಯ್. ಎಕಾ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಹಾಂಗಾಚ್ ಬಸೊನ್ ಚಿಂತಾಲೊಂ. ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸಾ ಆನಿ ವರಾಂಚೆಂ ಗುಮಾನ್ ನಾತ್‍ಲ್ಲೆಂ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊರಗ್ ಹಾತಾಂನಿ ತೆಂ ಪತ್ರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆಂ. ಅನಿಷ್ಟ್ ವಾರ್ತಾ ಹಾಡ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ತುಫಾನ್ ಉಟಯಿಲ್ಲೆಂ, ಆನಿ ತ್ಯಾ ತುಫಾನಾಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾರಾಂನಿ ಹಾಂವ್ ಉಪ್ಯೆತಾಲೊಂ. ರಾತ್ ಆನಿ ದೀಸ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಗಣ್ಣೆ ನಾಸ್ತಾನಾ!

ಆನಿ ಪತ್ರ್ಯಾನ್ ಹಾವೆಂ ತೆಂ ನಾಂವ್ ವಾಚ್ಲೆಂ.

ಗ್ರೇಶನ್ ಕುವೆಲ್ಲೊ- ತ್ಯಾ ಪತ್ರಾಚ್ಯಾ ಮುಳಾಂತ್ ಬರವ್ನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಹಾಂವ್ ತೆಂ ಪತ್ರ್ ವಾಚುಂಕ್ ಪಡ್ಲೊಂ. ತೆರಾವ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಂ...

ಮಾನೆಸ್ತಾ,

ತುಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾಧುವೆಕಡೆನ್ ಲಗ್ನ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಮುಕಾರ್ ಸರ್ಲಾಯ್. ಪುಣ್ ಕಿತೆಂ ಆಸಾ ತುಜೆಕಡೆನ್? ವ್ಯಾಪಾರ್ ಉದ್ಯಮ್? ಯಾ ಲಾಖಾಂನಿ ದುಡು? ನಾ! ತುಜೆಕಡೆನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ನಾ. ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ತುಜೆ ಥಂಯ್ ವಿದ್ಯಾ ಆಸಾ. ಸೊಭಾಯ್ ಆಸಾ. ಬರೆ ಶೆಗುಣ್ ಆಸಾತ್. ಪುಣ್ ಹಾಕಾ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ ಮೋಲ್ ಆಸ್ಟೆಂ ನಾ. ಪಯ್ಶೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ಲಿ ಮೊಲಾಧಿಕ್ ವಸ್ತ್! ಸರ್ವಾ ಪ್ರಾಸ್ ವರ್ತಿ. ಜರ್ ತರ್ ತುಜೆಕಡೆನ್ ಧನ್ ಆಸಾ, ತುಂ ಖುನಿಗಾರ್ ತರೀ ನಿರಾಪ್ರಾಧಿ! ತುಂ ಅಜ್ಞಾನಿ ತರೀ ವಿಜ್ಞಾನಿ! ಮ್ಹಣ್ಣೆ ಹ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಉದ್ದೇಶ್ ಇತ್ಲೊಚ್ ಕೀ ತುಂ ಬೃಹತ್ ಐವಜಾಚೊ ಧನಿ ಜಾತಾನಾ ತುವೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಧುವೆಕಡೆನ್ ಲಗ್ನ್ ಜಾವ್ಯೆತಾ. ನಾ ತರ್ ಅಸಾಧ್ಯ್. ಆನಿ ತುಜೊ ನಿರ್ಧಾರ್ ಧಾ ದಿಸಾಂನಿ ಕಳಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್.

– ಗ್ರೇಶನ್‍ಕುವೆಲ್ಲೊ.

ಪತ್ರ್ಯಾನ್‍ತೆಂ ನಾಂವ್ ವಾಚ್ಲೆಂ ಹಾವೆಂ ತಾತ್ಸಾರಾನ್!

ವ್ಹಯ್! ಹಾಂವ್ ಆಶೆಲೊಂ ತ್ಯಾ ಚಲಿಯೆಕ್, ಕುವೆಲ್ಲೊಚಿ ಧುವ್! ಹಿ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿಣಿಯೆಚಿ ಆಶಾ! ಆನಿ ತಿ ಪುರ್ಣ್‍ಕರುಂಕ್ ಹಾಂವೆಂ ಕಸಲೊಯ್ ತ್ಯಾಗ್ ಕರುಂಕ್ ತಯಾರ್ ಆಸಾಜಾಯ್. ಕಿತ್ಲ್ಯಾ ಖುನಿಯಾಂಕ್ ತರೀ ಮುಕಾರ್ ಸರೊಂಕ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲೆಂ ವ್ಹಯ್! ಎದೊಳ್‍ಚ್ ಏಕ್ ಹಫ್ತೊ ಉತರ್‍ಲ್ಲೊ.

ಆನಿ ತೀನ್ ದಿಸಾಂನಿ ಹಾವೆಂ ಜವಾಬ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್...

ಹಾಂವ್ ಪತ್ರಾನ್ ಭ್ರಮೆಂತ್ಲೊ ಜಾಗೊ ಜಾಲೊಂ. ತೆಂ ಪತ್ರ್ ಹಾಂವೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ಚೆಪ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲಿ ಸಿಗ್ರೇಟ್ ಕಾಡ್ನ್ ತೊಂಡಾಕ್ ಖೊವವ್ನ್ ದುಸ್ರ್ಯಾ ತುದಿಯೆಕ್ ಲಾಯ್ಟರಾಂತ್ ಉಜೊ ದಿಲೊ. ಆನಿ ಘಡಿಯೆನ್ ತಿ ಧುಂವರ್ ವ್ಹೊಂಕೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ.

ಲಾಖಾಂಚೆಂ ಧನ್ ಹಾವೆಂ ಫಕತ್ತ್ ತೀನ್ ದಿಸಾಂನಿ ಜೊಡುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ... 'ಹ್ಹ... ಹ್ಹ... ಹ್ಹ...' ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಕ್ರೂರ್ ಹಾಸೊ ಉದೆಲ್ಯೊ ಜಾಂವ್ಕ ಪುರೊ ಹಾಂವೆ ಅಶೆಂ ಹಾಸ್ಚೆಂ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಂ!

ಜಳೊನ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಏಶ್‌ಟ್ರೇಚಾ ಬುರಾಕಾಂತ್ ರಿಗಯ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ಬುರಾಕಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಬಾರೀಕ್ ಧುಂವರ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆತಾಲೊ.

ಫ್ರಿಜ್ಜಾಂತ್ಲಿ ಬಿಯರಿಚಿ ಬೋತ್ಲ್ ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡ್ನ್ ಎಕಾ ಗ್ಲಾಸಾಂತ್ ಬಿಯರ್ ವೊತ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ. ಗ್ಲಾಸ್ ತೊಂಡಾಕ್ ತೆಂಕ್ತಾನಾ ಮಾಧಕ್ಷಣ್ ತಕ್ಲೆಕ್ ಚಡ್ತಾಲೆಂ... ಆನಿ ಬಿಯರ್ ಪೊಟಾಕ್ ದೆಂವ್ತಾಲಿ... ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಲೀಲಾ ಆಂಟಿಚ್ಯಾ ಖುನಿಯೆಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ವ್ಹಾಳ್ತಾಲಿಂ! ವ್ಹಯ್! ಲ್ಹಾನ್ಪಣಾರ್ ಹಾಂವ್ ಅನಾಥ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ತಾನಾ ತಿಣೆ ಮ್ಹಾಕಾ ಘರಾ ಹಾಡ್ನ್ ಪೊಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಎಕಾ ಫೆಕ್ಟರಿಚಿ ಮ್ಹಾಲಕಿಣ್ ತಿ. ಪಯ್ಶಾಂಚ್ಯಾ ರಾಶಿರ್ ತಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಪುಣ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಚೊ ವಿಬಾಡ್‌ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ದಾಕ್ಟ್ಯಾಂಕ್ ವಾಂಟ್ತಾಲಿ. ಸಮಾಜ್ ಸೆವಾ ಕರ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ತಿಣೆ ಮ್ಹಾಕಾ ಸರ್ವ್ ಸವ್ಲತಾಯ್ ದಿಲ್ಲಿ. ಪುಣ್ ಪೈಶಾಂಚಿ ಪಿಸಾಯ್ ಲಾಗಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಂ ಸಾಂಬಾಳ್ತಾಲಿ.

ತಿಚೆ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ರೆ ಫೆಂವ್ತ್ ಜಾಯ್ ತರ್ ಬಲಾತ್ಕಾರಾನ್ ಫೆಂವ್ತ್ ಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಮ್ಹಣ್ಜೆ ತಿಚಿ ಖುನಿ ಕರ್ನ್...!

ಭಯಾನಕ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಚಿಂತಾಪ್!

'ಆವಯ್ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚಿ ತುಂ ಖುನ್ ಕರ್ತಾಯ್? ರಸ್ತ್ಯಾ ವಯ್ಲೆಂ ತುಕಾ ಉಟವ್ನ್ ತುಕಾ ತಿಚೊ ಪೂತ್ ಕರ್ನ್ ಘೆತ್ಲಾ. ಅಸಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ತುಂ ವಿಸ್ರಾತಾಯ್? ತಿ ಸಮಾಜ್ ಸೆವಕಿ. ಸಮಾಜೆಕ್ ತಿ ಜಾಯ್! ತುಜ್ಯಾ ಸ್ವಾರ್ಥಾ ಖಾತಿರ್ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ಧಾಕ್ಟ್ಯಾಂಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ರಡಯ್ತಾತ್?' ಕೊಶೆಡ್ತ್ ಬೊಬಾಟ್ ಮಾರ್ತಾಲೆಂ.

'ಪುತ್ಯಾ, ಚಿಂತಾಯ್ ಕಿತೆಂ? ತಿ ಸಮಾಜ್ ಸೇವಕಿ. ತಿಣೆ ಪಯ್ಲಿ ತುಜಿ ಸೆವಾ ಕರಿಜಾಯ್. ತಿಕಾ ಪ್ರಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾ. ಆಯ್ಚೆ ದೀಸ್ ತುಜೆ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್. ಜರ್‌ತರ್ ತುಂ ಹೊ ಅವ್ಕಾಸ್ ಹೊಗ್ಡಾಯ್ಸಿ ಆನಿ ತುಕಾ ಮೆಳ್ಚೊನಾ. ಜೀಣ್‌ಭರ್ ತುಂ ರಡ್ತಲೊಯ್!' ಮಾಧಕ್ ಮತ್ ಅಶಿ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿ. ಹ್ಯಾ ನಿರಂತರ್ ಝುಜಾ ನಂತರ್ ಖರಿ ಜವಾಬ್ ದಿಲಿ ತ್ಯಾ ಪತ್ರಾನ್–

'ಜರ್ ತರ್ ತುಜೆಕಡೆನ್ ಧನ್ ಆಸಾ ತುಂ ಖುನಿಗಾರ್ ತರೀ ನಿರಾಪ್ರಾಧಿ' ಗ್ರೇಶನ್ ಕುವೆಲ್ಲೊಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಹಾವೆಂ ಪತ್ರಾನ್ ವಾಚ್ಲೆಂ. ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಉತ್ತೇಜನ್ ದೀಲಾಗ್ಲಿಂ. ವ್ಹಯ್. ಹಾವೆಂ ಖುನ್ ಕೆಲ್ಯಾರೀ ಮ್ಹಜೆ ಪಯ್ಶೆ ಮ್ಹಾಕಾ ಬಚಾವ್ ಕರ್ತೆಲೆ. ಹಾಂವ್ ರಾಯಾ ಬರಿ ಜಿಯೆತಲೊಂ. ಪಾಪ್! ಲೀಲಾ ಆಂಟಿಚೆ ಪಯ್ಶೆ ತಿಕಾಚ್ ನೀತ್ ದಿಂವ್ಚೆನಾಂತ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತವಳ್ ತೆಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತಾಬೆಂತ್ ಆಸ್ತೆಲೆ.

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಹಾಂವೆಂ ಶಿಂತ್ಯಾಳಿ ಮಾಂಡಾವಳ್ ಕೆಲ್ಲಿ. ತಶೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಮ್ಹಜೆ ಥಂಯ್ ಚಡಿತ್ ಧಯ್ರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂಬ್ ಖೂಬ್ ರಡ್ತಾಲೊಂ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಅದೃಷ್ಟಾಕ್! ಹಾಂವ್ ಕೆದಿಂಚ್ ತಯಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊಂ ತಿಚಿ ಖುನ್ ಕರುಂಕ್...! ಪುಣ್ ವಿಧಿನ್ ಮ್ಹಜೆರ್ ದಾವ್ಲಿ ಮಾರ್‌ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾಲೊಂ.

ಆನಿ ತೊ ಆಟ್ವೊ ದೀಸ್... ತೆಂ ಪತ್ರ್ ಯೇವ್ನ್ ಆಟ್ ದೀಸ್ ಉತರ್‌ಲ್ಲೆ ಆನಿ ದೋನ್ ದೀಸ್ ಬಾಕಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಆನಿ ಆಜ್ ರಾತಿಂ ಲೀಲಾ ಅಂಟಿಕ್ ರಾತಿಂ ಮಿಟಿಂಗಾಕ್ ವಚೊಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ವೊರಾಂ ಧಾ ಜಾತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹಾವೆಂ ತೇಗ್ ಜಣ್ ಗೂಂಡಾಂಕ್ ಫರ್ಮಾಣ್ ದಿಲ್ಲೆಂ-ತಿಚಿ ಖುನಿ ಕರುಂಕ್. 50 ಹಜಾರ್ ರುಪಯ್ ಹಾವೆಂ ತಾಂಕಾ ಭಾಸಾಯಿಲ್ಲೆ. 50 ಹಜಾರ್ ನಹಿಂ 5 ಲಾಖ್ ತರೀ ಪರ್ವಾ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಫಾಲ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಕರೊಡ್ ಪತಿ... ಕುವೆಲ್ಲೊಚ್ಯಾ ಧುವೆಕ್ ನಹಿಂ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ತರೀ ಮೊಲಾಕ್ ಘೆಂವ್ಚಿ ಸಕತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ.

ಆನಿ ತಿ ರಾತ್ ಜೂನ್ ಜಾಲಿ...

ಲೀಲಾ ಆಂಟಿ ಘರಾ ಆಯ್ಲಿ ನಾ...

ಹಾಂವ್ ಖೂಬ್ ರಡ್ಲೊಂ- ಆದರ್ಶ್ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚ್ಯಾ ಖುನಿಯೆ ಥಂಯ್. ಹಾಂವೆಂ ನೇಮಕ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಗುಂಡಾಂನಿ ತಾಂಚೆಂ ಕಾಮ್ ಪಾಳ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಆನಿ ದುಸ್ರ್ಯಾ ದಿಸಾಚೆಂ ದಿಸಾಳೆಂ ಪತ್ರ್ ಹಾವೆಂ ವಾಚ್ಲೆಂ. ರೊದಾಂ ಪಂದಾ ಪಡೊನ್ ಭೆಸ್ಟಾಂ ಜಾಲ್ಲಿ ಲೀಲಾ ಆಂಟಿಚಿ ಕೂಡ್ ತಸ್ವೀರೆರ್ ಅಸ್ಪಷ್ಟ್ ಥರಾನ್ ದಿಸ್ತಾಲಿ 'ಲೊರಿಯೆ ಪಂದಾ ಪಡೊನ್ ಉದ್ಯಮಿ ಸಮಾಜ್ ಸೆವಕಿ ಲೀಲಾ-ಹಿಚೆಂ ಮರಣ್' ವಾರ್ತಾ ಹಾಂವೆಂ ವಾಚ್ಲೆ.

ಹಾಂವ್ ಎದ್ದೊಳ್‌ಚ್ಚ್ ಭಿರ್ಮತೆನ್ ಕಡೊನ್ ಗೆಲ್ಲೊಂ. ಪುಣ್‌ತ್ಯಾಕರೊಡ್‌ರುಪ್ಯಾಂ ಥಂಯ್ ಸಂತೊಸ್ ಪಾವ್ತಾಲೊಂ!

ಆನಿ ತಿಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಿಚೊ ವೀಲ್ ಕೊಡ್ತಿಂತ್ ಹಾಜರ್ ಜಾಲೊ!... ತೊ ವೀಲ್! ಸರ್ವ್ ಆಸ್ತ್ ಬದಿಕ್ ತ್ಯಾ ಕಾಗ್ದಾ ಕುಡ್ಕ್ಯಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಉಗ್ತಾವಣಾಕ್ ಹಾಂವ್ ರಾಕೊನ್ ರಾವ್ಲೊಂ. ವೀಲ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಗ್ರೇಸ್ತಾಂಚಿ ಎಕಾ ಥರಾಚಿ ವ್ಹಡ್ತಿಕಾಯ್. ತ್ಯಾ ವೀಲಾಚಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಗರ್ಜ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ತರೀ ಸರ್ವ್ ಆಸ್ತ್ ಮಾಕಾಚ್ಚ್ ಮ್ಹಣ್ ಕಳಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ತಿಚೊ ಪತಿ ಸಬಾರ್ ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ಅಂತರ್‌ಲ್ಲೊ. ತಿಕಾ ಭುರ್ಗಿಂ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಸರ್ವಾಚೊ ವಾರೆಸ್ದಾರ್ ಹಾಂವ್‌ಚ್. ಮುನ್ಸಿಪಾನ್ ವೀಲ್ ವಾಚ್ಲೊ.

"ಮ್ಹಜಿ ಫೆಕ್ಟರಿ, ತಾಂತ್ಲೊ ಮುನಾಫೊ ತ್ಯಾ ಕಾರ್ಮಿಕಾಂಕ್. ಹ್ಯಾ ಫುಡೆಂ ತೆಚ್ ತಾಚೆ ಕಾರ್ಮಿಕ್ ಆನಿ ಮ್ಹಾಲಕ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದುಡ್ವಾಂತ್ಲೊ 50% ಅನಾಥಾಸ್ರ್ಯಾಂಕ್ ತರ್, 50% ಕಥೊಲಿಕ್ ಆಸ್ಪತ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ಇಸ್ಕೊಲಾಂಕ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪೊಸ್ಕ್ಯಾ ಪುತಾಕ್ ಹೆಂ ಘರ್ ಮಾತ್ರ್ ದಿತಾಂ. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತೊ ಶಿಕ್ಲಿ ಆನಿ ಆಪ್ಲೊ ದಿಸ್ಪಡ್ತೊ ಗ್ರಾಸ್ ತೊ ಜೊಡ್ತಲೊ...."

ಮುನ್ಸಿಫಾನ್ ಏಕ್‌ಚ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವೀಲ್ ವಾಚ್‌ಲ್ಲೊ ತರೀ ತಾಂತ್ಲಿಂ ಉತಾಂ ಹಜಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂನಿ ಪ್ರತಿಧ್ವನಿತ್ ಜಾತಾಲಿಂ! ವ್ಹಯ್, ಆಜ್ ಹಾಂವ್ ಸಲ್ವಾಲ್ಲೊಂ. ಹಾವೆಂ ಆಶೆಲ್ಲಿ ಚಲಿ ಮ್ಹಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲಿ. ಹಾಂವ್ ಖುನಿಗಾರ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ! ಹಾವೆಂ 50 ಹಜಾರ್ ರುಪಯ್ ಗೂಂಡಾಂಕ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಬಾಕಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಹಿಂ ಸರ್ವ್ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮತಿಂತ್ ಉದೆವ್ನ್ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಲಿಂ.

ವ್ಹಯ್, ಮ್ಹಾಕಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಲೀಲಾ ಆಂಟಿ ಥಾವ್ನ್ ಕಿತೆಂಚ್ ಮೆಳೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಮತ್ ನಿಯಾಳಿಲಾಗ್ಲಿ ತೊ ವೀಲ್- ಮ್ಹಜೆಂ ಜಿವಿತ್ ಉಡ್ಡ್ಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲೊ!

*** – ***

(ಕಾಣಿಕ್, 1987)

ಡಕಾಯಿತ್

ರಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಚೀರ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿ ನಿಯಂತ್ರಣ್ ಭಾಯ್ಲ್ಯಾ ವೇಗಾನ್ ಧಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಕಾಚೊ ವೇಗ್ ಕ್ರಮೇಣ್ ಉಣೊ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾನಾ ಎಕ್ಸಿಲೇಟರಾ ವಯ್ಲೊ ಹಾತ್ ಸದಿಲ್ ಜಾಂವ್ಚೆ ಸಂಗಿ ಪಾಂಯ್ ಬ್ರೇಕಿಚೆರ್ ದಾಂಬ್ತಾನಾ ಬ್ರೇಕಾನ್ ಆಪ್ಲಿ ಧಾಂವ್ಣಿ ರಾವಯಿಲ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ರಾತಿಚೆ 12.54 ಮಿನುಟಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿ ಶಹರಾ ಮಧ್ಗೆಂ ಜಯ್ತ್ ಟವರ್ ಕ್ಲೋಕ್ ದಾಖಯ್ತಾಲೆಂ ಪುಣ್ ತೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಹ್ಯಾ ರಾತಿಚ್ಯಾ ಬರಾರ್ ಎಕ್ಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ದುಸ್ರೊ ಥಂಯ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಬಾಯ್ಕಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ದೆಂವ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿನ್ ಹಳ್ತಾರ್ ತಾಚೆ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಗೆಟಿಚೆರ್ ನದರ್ ಚರಯ್ಲಿ.

'ಸುಖ್ ಸಾಗರ್'

ಉತ್ರಾಂ ವಾಚುನ್ ವ್ಯಕ್ತಿನ್ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಹಾತ್ ಖೊವಯ್ಲೊ. ಭಾಯ್ಲ್ರ ಥಂಡ್ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಬೊಲ್ಸಾ ಭಿತರ್ಲೊ ಹಾತ್ ಊಬ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲಿ ರಿವಾಲ್ವರ್ ಹುಕ್ಮೆಕ್ ರಾಕ್ತಾಲಿ.

ತ್ಯಾ ಅನಾಮಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿಚಿ ದೀಷ್ಟ್ ವಾಹನಾಚ್ಯಾ ಸಾಯ್ಲೆನ್ಸರಾ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಧುಂವ್ರಾಚೆರ್ ಆಸ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ಧುಂವ್ರಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಸಿಗ್ರೆಟಿಚಿ ವೊಡ್ಣಿ ಆಯ್ಲಿ ತಾಕಾ. ಸಿಗ್ರೆಟಿಚ್ಯಾ ಪೊಂತಾಕ್ ಉಜೊ ದೀವ್ನ್ ಲಾಯ್ಟರ್ ಪಾಲ್ವಯ್ಲೊ ತಾಣೆ. ಲಾಯ್ಟರಾಚೊ ಧುಂವರ್ ಕ್ರಮೇಣ್ ವಾರ್ರ್ಯಾರ್ ವಿಲೀನ್ ಜಾಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ವಾಹನಾಚೊಯಿ ಧುಂವರ್ ಅದೃಶ್ಯ್ ಜಾಲೊ. ವರ್ಸಾಂ ಆದಿಂ ತಾಚೆಂ ಕೊಳೆಡ್ಡ್ಯಿ ಅಶೆಂಚ್ 'ಖುನಿಗಾರ್ ಖುನಿಗಾರ್' ಮ್ಹಣ್ ತೀಕ್ಷ್ಣ್ ರಿತಿನ್ ಧುಂವರ್ತಾಲೆಂ. ಪುಣ್ ಆತಾಂ ತೆಂ ಕ್ಷೀಣ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾತಾವರಣಾಂತ್ ಭಸೊರ್ನ್ ತಾಚೊ ಆವಾಜ್ ನಪಂಯ್ಸ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಡಕಾಯಿತ್!

ಡಕಾಯಿತ್ ತೊ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ. ತಾಚೊ ಮಾರ್ಗ್‌ದರ್ಶಕ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ ರಣ್‌ಧೀರ್ ಸಿಂಗ್! ರಣ್‌ಧೀರ್ ಸಿಂಗ್ ಜನ್ಮಾ ಥಾವ್ನ್ಂಚ್ ವೃತ್ತಿಪರ್ ಲುಟ್ಕಾರಾಂಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಂತ್ಲೊ ತೊ. ತಾಣೆಂ ಎಕಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಚೋರ್ನ್ ಹಾಡ್ಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ಆತಾಂ ತೊ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ ತ್ಯಾ ಪಂಗ್ಡಾಚೊ ಮುಖೆ ತಾಚೆಂ ನೀಜ್ ನಾಂವ್ ಕಿತೆಂ. ಕೊಣೀ ನೆಣಾಂ. ಪುಣ್ ರಣ್‌ಧೀರ್ ಸಿಂಗಾನ್ ತಾಕಾ 'ಜೀವನ್' ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ನಾಂವ್ ದವರ್ಲ್ಲೆಂ.

ರಣಧೀರ್ ಸಿಂಗ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ದುಸ್ಮಾನಾಂಕ್ ಕೆದಿಂಚ್ ವಿಸ್ರಾನಾತ್ಲ್ಲೊ. ಆನಿ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಖಬ್ರೆಕ್ ತರೀ ಕೊಣೀ ವಚಾನಾತ್ಲ್ಲೆ. ಪುಣ್ ಎಕಾ ಪೊಲಿಸ್ ಆಫಿಸರಾಚ್ಯಾ ಧಯ್ರಾಧಿಕ್ ಸಾಹಸಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ 10 ವರ್ಸಾಂ ತಾಣೆ ಜೈಲಾಂತ್ ಖರ್ಚಿಲ್ಲಿಂ. ತೆಂ ಖುಣ್ ಫಾರಿಕ್ ವಾಡಿ ಸಮೇತ್ ಕರುಂಕ್ ಖುದ್ದ್ ತಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾಚೆಂ ತಾಣೆ ಉಣೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ತರೀ ತಾಚೊ ತರುಣ್ ಹಾತ್ ಜೀವನ್ ಆಯ್ತೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ಜೀವನಾನ್ ಸಿಗ್ರೆಟ್ ಚಿಂವ್ರೊನ್ ಪಯ್ಸ್ ಉಡಯ್ಲಿ.

'ಸುಖ್ ಸಾಗರ್' ಆಜ್ ದುಃಖಾಂತ್ ಬುಡಯ್ತಲೊಂ. ತೊಂಡಾಂತ್ಲ್‌ಚ್ ಪುಸ್ಸ್ಲೊ ತೊ. ತಾಣೆ ಸಬಾರಾಂಚೆ ಜೀವ್ ಕಾಡ್ಲ್ಲೆ. ಸಬಾರಾಂಕ್ ಸಾರಿಯೆ ವಿಣೆಂ ಜಳಯಿಲ್ಲೆಂ ಆನಿ ಸಿಮಿಸ್ತ್ರೆ ವಿಣೆಂ ಪುರ್ಲ್ಲೆಂ. ಥೊಡ್ಯಾಂಚೆ ಹಾತ್-ಪಾಂಯ್. ತಶೆಂಚ್ ಜಿವಾಚೆ ಸಬಾರ್ ವಿಶ್ವೆ ಮರ್ತಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಕಾಮ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಕೆಲ್ಲೆ.

ಭಾರಿಚ್ ಧಯ್ರಾಧಿಕ್ ತೊ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಲೊಕೇಶ್ ತಾಕಾ ಭಿಯೆತಾಲೊ.

ಪುಣ್ ಆಜ್ ತಾಣೆ ಎಕಾ ನಿವೃತ್ತ್ ಪೊಲಿಸ್ ಅಧಿಕಾರಿಚಿ ಆನಿ ತಾಚ್ಯಾ ಪತಿಣೆಚಿ ಖುನ್ ಕರುಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ರಣಧೀರ್ ಸಿಂಗಾನ್ ಬಾಕಿ ದವರ್‌ಲ್ಲೆ ಮಿಸಾಂವ್‌ಪುರ್ಣ್‌ಕರುಂಕ್‌ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಆಜ್ ತಾಚ್ಯಾ ಜಿವಾಂತ್ ಅವ್ಯಕ್ತ್ ಶಿರ್ಶಿರೊ ಧಾಂವ್ತಾಲೊ.

ಆಜ್ ತಾಚೆ ಹಾತ್ ಕಾಂಪ್ತಾಲೆ. ತಾಚೆ ಥಂಯ್ ಅವ್ಯಕ್ತ್ ಭ್ಯೆಂ ಉಬ್ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ತಾಚೆ ಪಾಂಯ್ ಗೇಟಿ ಭಿತರ್ ವಚೊಂಕ್ ನರ್ಗಾತಾಲೆ.

ಹ್ಯಾ ಮೂಳ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಭಿಯಾಚೆಂ ಕಾರಣ್ ಕಿತೆಂ? ಹ್ಯಾ ಭಿಯಾಚಿಂ ಪಾಳಾಂ ಖಂಯ್ಸರ್ ಥಾವ್ನ್ ಉದೆಲ್ಯಾಂತ್?

ತೊ ಚಿಂತಾಲೊ. ಎಕಾ ಹಫ್ತ್ಯಾ ಆದ್ಲ್ಯಾ ತಾಚ್ಯಾ ಆನಿ ರಣಧೀರ್ ಸಿಂಗಾ ಮಧ್ಲ್ಯಾ ಉಲವ್ಣ್ಯಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಯ್ಲೊ ತಾಕಾ....

"ಜೀವನ್, ತುಜೆ ಥಾವ್ನ್ ಲಿಪಯಿಲ್ಲೆಂ ಏಕ್ ಸತ್ ಸಾಂಗೊಂ?"

"ಸಾಂಗ್ ಬೊಸ್"

"ಸತ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ತರ್ ತುಕಾ ಹಾವೆಂ ಚೋರ್ನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೊ, ಮ್ಹಣ್ಜೆ ಎಕಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ ಮುಕಾರ್ ಬಲತ್ಕಾರಾನ್ ವೊಡ್ನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲೊ, ಆನಿ ತುಕಾ ಹಾವೆಂ ಲುಟ್ಕಾರ್ ಕೆಲೊ".

"ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಡಕಾಯಿತ್ ಜಾಲೊಂ!" ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾನ್ ಹಾಸ್ಲೊ. ತಶೆಂಚ್ ಮುಂದರ್ಸಿಲೆಂ ತಾಣೆಂ–

"ತುವೆಂ ಆಜ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವ್ಹಡ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ಕೆಲೊಯ್ ಬೊಸ್. ಹಾಂವ್ ಆತಾಂ ವ್ಹಡ್ ಮನಿಸ್ ಜಾಲೊಂ. ಲಾಖಾಂನಿ ದುಡು ಥೊಡ್ಯಾಚ್ ವೇಳಾನ್ ಜೊಡ್ತಾ, ತಸಲೆಂ ಯಂತ್ರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ಲೊಂ. ಆಜ್ ಸಂಸಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವಳ್ಖೊಂಕ್ ಸಕ್ಲೊ. ಪೊಲಿಸ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ನಾಂವಾಂಕ್ ಉಡೊನ್ ಪಡ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಥಿತೆಕ್ ಪಾವ್ಲೆ. ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ಅಭಾರಿ ಬೋಸ್, ಜೀವನಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚಿ ಧಾರ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಸಕ್ಲೊನಾ ಮ್ಹಾತಾರೊ ರಣಧೀರ್".

"ಪುಣ್ ಜೀವನ್, ಹೆಂ ಕೆದೊಳ್ ಪರ್ಯಾಂತ್? ತುಜ್ಯಾ ಜಿವಾಚಿ ಭದ್ರತಿ ಕಸಲಿ?"

"ಮರ್ಣಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಬೊಸ್. ಡಕಾಯಿತಾಂಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಜಿವಾಚಿ ಭದ್ರತಿ ಆಸಾನಾ".

"ಜೀವನ್ ಹೆಂ ಫಟ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಹೆಂ ಕ್ಷಣಿಕ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಮ್ಹಜೆ ದೊಳೆ ತುಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ಸಕಾನಾ ಹಾಂವ್. ಹಾಂವ್ ಪಾತ್ಕಿ, ಕ್ರೂರಿ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಮನ್ಪಣ್‌ತುಜೆ ವಿಶಿಂ ನಿಯಾಳ್ತಾಂ. 'ಜೀವನಾಕ್ ಬರಿ ವಾಟ್ ದಾಖಯ್. ತಾಕಾ ಏಕ್ ಬರೊ ನಾರಿಕ್ ಕರ್. ತಾಚಿ ಜಿಣಿ ಸಾರ್ಥಕ್ ಜಾಯ್ಶೆಂ ಕರ್' ಮ್ಹಣ್ ಏಕ್ ತಾಳೊ ಮ್ಹಾಕಾ ಅವ್ಯಕ್ತ್‌ಪಣಿ ಧೊಸ್ತಾ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಕರಿಣ್ ದಾವೆನ್ ಹಾಂವ್ ಲಾಸ್ತಾಂ. ಜೀವನ್. ತುವೆಂ ಬರೊ ನಾಗರಿಕ್..."

"ಬರೊ ನಾಗರಿಕ್!?" ಜೀವನಾನ್ ಅರ್ಧ್ಯಾರ್ ಉತ್ರಾಂ ತುಟಯಿಲ್ಲಿಂ.

"ತೊ ಪೊಲಿಸ್, ತೊ ಲೋಕ್ ನಾಗರಿಕ್, ಆಮಿ ಅನಾಗರಿಕ್ ವಿಚಿತ್ರ್! ತಾಣಿಂಚ್ ತಾಂಕಾಂ ದಿಲ್ಲೊ ಕುರೊವ್ ತೊ, ಆಮ್ಚೆ ತಸಲ್ಯಾಂಕ್ ಧರುಂಕ್, ನಾಸ್ ಕರುಂಕ್ ಧಯ್ರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್ ತೆ. ತಸಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಹಾಂವ್ ಥುಕ್ತಾಂ... ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಆಪ್ಲಿಚ್ ವೃತ್ತಿ ಆಸ್ತಾ. ಪೊಲಿಸಾಂಕ್ ಚೊರಾಂಕ್ ಧರ್ಚಿ ತರ್. ಲುಟ್ಕಾರಾಂಕ್ ಲುಟ್ಚಿ. ಅನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ತಾಚಿಚ್! ಅಶೆಂ

ಆಸ್ತಾಂ ಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್ ಕರ್ತಾಂ, ತೆಂ ಮ್ಹುಜೆ ಆನಿ ತುಜೆ...."

"ಬಂಧ್ ಕರ್ ಜೀವನ್!...."

"ನಾ. ತುಂ ಬರೊ ಜಾತಲೊಯ್. ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಮರ್ತಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಹೆಂ ತುಜ್ಯಾ ಕನ್ಸಾ ಕರಯ್ತಲೊಂ, ತುಂ ಧನಾಕ್ ಆಶೆತಾಯ್? ತುಕಾ ಪಯ್ಸೆ ಜಾಯ್? ಆನಿ ತ್ಯಾ ಪಯ್ಶಾಂ ಖಾತಿರ್ ಬಾಯ್ಲೆಕ್. ಘೊವ್. ಭುಗ್ರ್ಯಾಂಕ್. ಬಾಪಯ್. ಆವಯ್ಕ್. ಪೂತ್ ಸಾಸ್ಲ್ಯಾಕ್ ನಾ ಕರ್ತಾಯ್? ತರ್ ಆಯ್ಕ್. ಘೆ ಹಿ ಚಾವಿ. ಮೊರ್ವಾಂ ಸನ್ವಾರಾ ರಾತಿಂ ಇ॥ ನಾಮ್‍ದೇವಾಚಿ ಖುನ್ ಕರ್ ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮ್ಹುಜ್ಯಾ ತಿಜೊರೆಂತ್ಲೊ ದುಡು ತುಜೆ ಸ್ವಾಧೀನ್‍ಕರ್. ಪುಣ್‍ಏಕ್‍ಉತಾರ್‍ಉಗ್ಡಾಸ್ ದವರ್ ಜೀವನ್. ಲುಟ್ಮಾರಾಂಚಿ ವಾಟ್ ಕಿತ್ಲಿ ಲಾಂಬ್ ಜಾವ್ನಾಸಾಗೀ ತಿತ್ಲಿಚ್ ಮಟ್ವಿಯಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ" ತಿತ್ಲ್ಯಾರ್ ಜೀವನಾನ್ ಮೌನ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಲೆಂ.

ಜೀವನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವೃತ್ತೆಂತ್ ಸ್ಥಿರ್ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನಿಚೆವಾಕ್ ತೊ ಕೆದಿಂಚ್ ಬದ್ಲುಂಕ್ ತಯಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

'ಟೈಂ...'

ಟವರ್ ಕ್ಲೋಕಾನ್ ರಾತಿಚ್ಯಾ ಎಕಾ ವೊರಾಚೆಂ ಸಂಕೇತ್ ವ್ಹಾಜಯ್ತಾನಾ ಚಿಂತ್ನಾ ಸಾಗೊರಾಂತ್ಲೊ ತೊ ಜಾಗೊ ಜಾಲೊ.

ಗೇಟಿಚ್ಯಾ ಕುಂದ್ಯಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ 'ನಾಮ್‍ದೇವ್, ಪೊಲಿಸ್ ಅಧಿಕಾರ್' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಫಲಕಾಚೆರ್ ತಿರಾಸ್ಕಾರಾನ್ ಥುಕ್ಲೆಂ ತಾಣೆ,

ಗೇಟ್ ಉಡೊನ್ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ಲೊ ತೊ.

ತಾಕಾ ಆಡಂವ್ಕ್ ಕೊಣೀ ಥಂಯ್ಸರ್ ನಾತ್ಲೆ.

ಆಸ್ಲ್ಲೊ ತರ್ ಏಕ್ ಅಲ್ಸೇಶಿಯನ್ ಪೆಟೊ ಮಾತ್ರ್.

ತಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್‍ಗೀ ಯಾ ಫಾತ್ರಾ ಸಾಕ್ರ್ಯಾ ತಕ್ಲೆಂತ್ ಗೀ ಪಿಸ್ತೂಲೆಂತ್ಲೊ ಹುನೊನಿ ಗುಳೊ ರಿಗ್‍ಲ್ಲೊ. ಧೊವಿ ಲೊಂವ್ ಎದೊಳ್‍ಚ್ಚ್ ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ವರ್ಣಾಕ್ ಬದಲ್ಲ್ಲಿ ಜಾಯ್ಜಾಯ್.

ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾ ಉಪ್ರಾಂತ್...

ಜೀವನ್ ಬೆಡ್ ರೂಮಾಂತ್ ಉಬೊ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ!

ತ್ಯಾ ರೂಮಾಂತ್ ಖಾಟ್ಯೆರ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿಂ ದೊಗಾಂ ಪ್ರಾಯೆಸ್ತಾಂ ನಿದೆಚ್ಯಾ ವೆಂಗೆಂತ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿಂ.

ಕಾಳೆಚ್ ಮೊಚೆ. ಕಾಳೆಂ ಪೇಂಟ್ ಆನಿ ಕಾಳಿ ಜಾಕೆಟ್ ಗಾಲ್ನ್. ಹಾತಾಂತ್ ಪಿಸ್ತೂಲ್ ಧೆವ್ನ್ ಆಸ್‍ಲ್ಲಿ ವ್ಯಕ್ತಿ ಖಾಟೆ ಸರ್ಶಿನ್ ಯೆತಾಲಿ.

ಅಂಧ್ಕಾರಿ ಕಾಳೊಕಾಂತ್ ಯಾ ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್,

ಪುಣ್! ದೊಗಾಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾಚ್ಯಾ ಸಾವ್ಲೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್,

ತೀನ್ ಘುಟಿಂಚೊ ಅಂತರ್!

ಜೀವನಾ ಮಧೆಂ ಆನಿ ನಾಮ್‍ದೇವ್ ದಂಪತಿಂ ಮಧೆಂ.

ಪಿಸ್ತೂಲೆ ಥಾವ್ನ್ ಹುನೊನಿ ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಶಿರೆ ಭಿತರ್ ಪಾಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಗುಳ್ಯಾಂಚಿ ಪಯ್ಣಾಚಿ ವಾಟ್!

ತೊ ಅಂತರ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‍ಲ್ಲೊ ಧೊಣ್ವಾಂತ್ ಉಸಳ್ಚ್ಯಾ ಭಾಲಿಯೆ ಮಧ್ಲೊ ಆನಿ ಶಿಕಾರೆ ಮಧ್ಲೊ!

ಫಕತ್ತ್ ತೀನ್ ಘುಟಿ! ಚಾರ್ ಗುಳೆ ಬಾಕಿ ಉರ್‍ಲ್ಲೆ! ದೋನ್ ಗುಳೆ ಪೆಟ್ಯಾಕ್ ಖಾವಯಿಲ್ಲೆ!

ಜೀವನಾಚೊ ಪೋಲೊ ಮಿರ್ಮಿಲೊ, ದೊಳೆ ಅಶೀರ್ ಜಾಲೆ. ದಾಂತ್ ಅಡ್ವಾಲೆ ಆನಿ ಪಾಂಯ್ ಕಾಂಪೊಂಕ್ ಸುರು ಜಾಲೆ! ಮೊಚ್ಯಾಂ ಭಿತರ್ಲ್ಲೊ ಪಾಂಯ್ ಹಳ್ತಾರ್ ಖೊರ್ಜುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಭಿಂಯಾನ್ ಯಾ ಸಲ್ವಣೆನ್!

ಏಕ್ ಕ್ಷಣ್!

ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್ ಪ್ರಶಾಂತ್ ಕುಡಿಂಕ್ ಜಾಗ್ ಜಾಲಿ! ತಾಂಚೆ ಮುಖಾರ್ ಏಕ್ ಯಮದೂತ್ ಉಬೊ ಆಸ್‍ಲ್ಲೊ. ಪಿಸ್ತೂಲ್ ಉಜೊ ವೊಂಕ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ಗುಳೆ ಉಸಳ್ತಾಲೆ. ರಗಾತ್ ಧರ್ಣಿರ್ ವ್ಹಾಳ್ತಾಲೆ.

ದೊದೊನ್ ಗುಳೆ ಏಕೆಕ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಅನ್ಸಿಟೆಂತ್ ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ರೊಂಬ್‍ಲ್ಲೆ.

ತಾಣೆ ಜೀವ್ ಸೊಡ್‍ಲ್ಲೊ!

ಜೀವನಾಕ್ ಹೆಂ ಸದಾಂಚೆಂ ತರೀ ಆಜ್ ತೊ ಅವ್ಯಕ್ತ್ ಆಕಾಂತಾಕ್ ವಳಗ್ ಜಾಲ್ಲೊ. ತಾಚ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಂ ಥಳಾ ತಾಚ್ಯಾ ಬೊಸಾಚಿಂ ದುಸ್ಮಾನಾಂ ನಿದೊನ್ ಪಡ್‍ಲ್ಲಿಂ. ಪುಣ್ ತೊ ಮತಿಂತ್ಲ್ಯಾ ಸಂಘರ್ಷಾಕ್ ಒಳಗ್ ಜಾಲೊ.

ತಾಚ್ಯಾ ಆಂಗಾಂತ್ಲೊ ಘಾಮ್ ದೆಂವೊನ್ ರಗ್ತಾಂತ್ ಭರ್ಸಾಲ್ಲೊ!

ಹಜಾರ್ ದೊರಿಯಾಂನಿ ಭಾಂದ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿ ತಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ.

ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ತೊ ಸಕ್ಲೊ ನಾ.

"ಜೀವನ್, ಹೆಂ ಪತ್ರ್ ತುಕಾ ಹಾಂವ್ ದಿತಾಂ. ತೆಂ ಮಹತ್ವಾಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ, ಹಾಂತುಂ ಸರ್ವ್ ವಿವರ್ ಆಸಾ. ತುವೆಂ ಆಜ್ ಕರುಂಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಕಾಮಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತ್ಯಾಚ್ ಜಾಗ್ಯಾರ್ ತುವೆಂ ತೆಂ ವಾಚುಂಕ್ ಜಾಯ್. ತುಂ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಉತ್ರಾಕ್ ಪಾಳೊ ದಿತಾಯ್. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವ್ ತುಕಾ ಪಾತ್ಯೆತಾಂ. ತುಕಾ ಜಯ್ತ್ ಮೆಳೊಂ".

ರಣಧೀರ್ ಸಿಂಗಾಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಜಾಲೊ ತಾಕಾ, ಹಳೂ ಜಾಕೆಟಿಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಹಾತ್ ಘಾಲೊ ತಾಣೆ.

ಆನಿ ಪತ್ರಾ ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡ್ನ್ ವಾಚುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಜೀವನ್,

ಭುರ್ಗ್ಯಾ, ಆಜ್ ತುಂ ಪಡ್ಲೊಯ್. ಪುಣ್ ಪಡ್‍ಲ್ಲ್ಯಾ ಥಂಯ್ಸ್ ತುಂ ರಡ್ಲೊನಾಂಯ್, ಉಬೊ ಜಾವ್ನ್ ಸಾರ್ಕೊ ರಸ್ತೊ ಧರ್ತಲೊಯ್. ತುಜೆ ಮುಖಾರ್ ಆಸಾತ್ ದೋನ್ ನಿರ್ಜಿವ್ ಕುಡಿ, ಆನಿ ತ್ಯಾ ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಖೊಂಡಾಂತ್ ತುಂ ಉಬೊ ಆಸ್ತಲೊಯ್.

ತುಕಾ ಕಸಲಿಂಚ್ ಭೊಗ್ಲಾ ನಾಂತ್ ನಹಿಂಗೀ?

ಆಯ್ಕ್ ತಿಂ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್ ತುಜಿಂ ಜಲ್ಮ್‍ದಾತಾಂ. ತಿ ತುಜಿ ಆವಯ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ತಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾ ತುಕಾ ಬಲತ್ಕಾರಾನ್ ಹಾಡ್‍ಲ್ಲೊ. ತುಂ ತಾಂಚ್ಯಾ ಮೊಗಾ ಥಾವ್ನ್ ವಂಚಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಸೊಂಕ್ ಪುರೊ, ಪುಣ್ ತೆಂ ರಗಾತ್ ತೆಂ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಂಯಾಂ ಮುಳಿಂ ಮಸ್ತಾಲ್ಲೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ ತುಜೆಂಚ್!

ಆತಾಂ ತುಕಾ ಸವಾಲ್ ಧೊಸ್ತಾ ನಹಿಂಗೀ, ಹಾವೆಂ ಅಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕೆಲೆಂ?

ಜವಾಬ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಆಸಾ, ಸಂಸಾರ್ ವ್ಯವಹಾರ್ ಭರಿತ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಆನಿ ಚಾಲ್ತ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ವ್ಯವಹಾರಾಚೊ ತುಂ ಬರೊಚ್ಚ್ ಫಾಯ್ದೊ ಉಟಯ್ತಾಯ್, ತುವೆಂ ಖುನಿ ಕೆಲಿಯ್ ಆನಿ ತಾಚೆಂ ದೆವೆಂ ಹಾಂವ್ ಫಾರಿಕ್ ಕರ್ತಲೊ, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತಿಜೊರೆಂತ್ ತುಕಾ ದುಡು ಧಾರಾಳ್ ಮೆಳ್ತಲೊ.

ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಖುನ್!

ಕಠೋರ್ ಸತ್ ನಹಿಂಗೀ ಜೀವನ್? ಪುಣ್ ತ್ಯಾ ಕಠೋರ್ ಸತಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ಕೊಡು ಕಾಳಿಜ್ ಆಸಾ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ಏಕ್ ಕಿಡ್ಯಾ ಸಾರ್ಕಿ ಕಾಂತಪ್ಣಿ ಆಸಾ. ಜಾಂವ್ಕ ಪುರೊ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಚೂಕಿಚಿ ಪಶ್ಚಾತ್ತಾಪ್! ಪುಣ್ತುಂತಿತ್ಲೊ ಮೊವಾಳ್ ನಹಿಂ. ಕ್ರೂರಿ ಮನ್ಶಾತ್ ತುಂ. ಆನಿ ಜೀವ್ಸ್ವಾತ್! ಜೀವ್ಸ್ವಾತ್ ಕರುಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ಲಿ ಪಿಸ್ತೂಲ್ ಎದೊಳ್ಚ್ಚ್ ಖಾಲಿ ಜಾಲ್ಯಾ! ತುಂ ಮ್ಹಜೆರ್ ಫಾರಿಕ್ಣ್ ಆಶೆಂವ್ಕ ಪುರೊ. ಪುಣ್ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಹಾಂವ್ ಜಿವಂತ್ ಆಸ್ಚೊಂನಾ.

ಆನ್ಯೇಕ್ ಸವಾಲ್ ತುಕಾ ಧೊಸುಂಕ್ ಪುರೊ. ಬೊಸಾನ್ ಅಶೆಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಕರಯ್ಲೆಂ?

ಜವಾಬ್ ದಿತಾಂ, ಚೀತ್ ದೀವ್ನ್ ವಾಚ್–

ನೆಣ್ತ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚಿ ಮೊಳ್ಬಾಕ್ ಪಾಂವ್ಚಿ ಬೋಬ್ ಮೆಲ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಕ ಹಾಡಂವ್ಕ ಪಾವ್ಲ್ಯಾರೀ ತುಕಾ ಆಯ್ಕಾ ನಾ. ಬಾಯ್ಲ್. ಘೊವಾಚ್ಯಾ ಮರ್ಣಾವರ್ವಿಂ ಜೀಣ್ಭರ್ ರಡ್ತೆಲಿ ಶಿವಾಯ್. ಚುಕೊನ್ ಕೆದಿಂಕ್ ಹಾಸೊಂಕ್ ಪಾಂವ್ಚಿ ನಾ. ಮ್ಹಾತಾರಿಂ ಆಮ್ಚಿಂ ಮುಖಾರ್ 'ಪುತಾನ್ ಸಂಸಾರ್ ಸಾಂಡ್ಲೊ' ಮ್ಹಣ್ ಪ್ರಶಾಂತ್ ಮೊಳ್ಬಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ದುಃಖಾಂ ಗಳಯ್ತಾಲಿಂ. ತಾಂಚೆ ಬಾಂದ್ವಾಸ್ ತುಂ ಸಮ್ಜೊಂಚೊನಾಂಯ್. ತಾಂಚೆಂ ದುಃಖ್ ತುಂ ವ್ಹಾವಂವ್ಕ ಥಂಯ್ಸರ್ ಆಸ್ಚೊನಾಂಯ್. ಏಕಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಜಿವಾ ಸಂಗಿಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ತುಂ ಜಳಯ್ತೊಲೊಯ್ ಉಜ್ವ್ಯಾವಿಣೆಂ!!

ಆನಿ ಆಜ್?

ಹ್ಯಾ ಉಜ್ವ್ಯಾಮಧೆಂ ಹಾಂವೆಂ ಆನಿ ತುವೆಂ ಜಳಾಜಾಯ್. ಆಮ್ಚಿಂ ತಸಲ್ಯಾ ಡಕಾಯಿತಾಂನಿ ಜಳಾಜಾಯ್. ತಾಂಚಿಂ ದುಃಖಾಂ ಆಮಿ ಗಳಯ್ಲ್ಯಾಯ್. ಹಿ ಜಾಂವ್ಕ ಪಾವ್ತೆಲಿ ತುಜ್ಯಾ ಪರ್ತೊವ್ಣೆಚಿ ವಾಟ್! ಆನಿ ತುಂ ಬರೊ ನಾಗರಿಕ್ ಜಾತಲೊಯ್. ಲುಟ್ಮಾರಾಂಚಿ ವಾಟ್ ಕಿತ್ಲಿ ಲಾಂಬ್ ಜಾವ್ನಾಸಾಗೀ ತಿತ್ಲಿಚ್ ಮಟ್ವಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

– ರಣಧೀರ್ ಸಿಂಗ್

ಜೀವನ್ ವಾಚ್ತಾಲೊ... ತ್ಯಾ ಖೊಂಡಾಂತ್.... ತಿಂ ಮರೊನ್ ಪಡ್ಲ್ಲಿಂ ಮಾಂ–ಬಾಪ್! ನಿರ್ಜೀನ್ ಮುಖಮಳಾರ್ ವಿಚಿತ್ರ್ ಹಾಸೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ!!

ಕುಡಾಂತ್ ಆನಿಕೀ ಮಂದ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ಸಂಸಾರ್ ಘುಂವ್ತಾ'ಸೊ ದಿಸ್ತಾಲೊ! ಆನಿ ಆಖ್ಯೇಕ್ ಸಬ್ದ್ ಜಾಲ್ಲೆಪರಿಂ ಪರ್ತಾಲೊ ತೊ ಮತಿಹೀನ್ ಜಾವ್ನ್ ತ್ಯಾ ರಗ್ತಾಚ್ಯಾ ಖೊಂಡಾಂತ್!

ತಾಚಿ ವಾಟ್ ಬೋವ್ ಮಟ್ವಿ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲಿ!

*** – ***

(ಕಾಣಿಕ್, 1988)

ಏಕ್ ಪಯ್ಣ್....!

ಚಿಕಾರ್ ಭರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ಗಡ್ದೆಂತ್ ಹಾಂವ್ ಉಬೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊಂ. ಮ್ಹಜೆಂ ಮುಖ್ಲ್ಯಾನ್ ಸಬಾರ್ ವಾಹನಾಂ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾಲಿಂ.

ಎಕಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್, ಎಕಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ಆನಿ ಎಕಾ ವಯ್ರ್ ಏಕ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಬರಿ.

ಆನಿ ಅಶೆಂಚ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಮನಿಸ್ ಆದಾಳ್ತಾಲೆ. ಆನಿ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪೇಂಟಾಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲೆ ಪೈಶ್ಯೆ ಆವಾಜ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ದೋನ್ ಪಾವ್ಲ್ಯೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್, ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಹಾತ್ ಘಾಲ್ನ್ ಸಾಸ್ಪೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊಂ.

ಏಕ್-ಎಕಾ ರುಪ್ಯಾಚಿ. ಆನ್ಯೇಕ್-ಚಾರ್ ಆಣ್ಯಾಂಚಿ ಪಾವ್ಲಿ!

ರು. 1-25!

ಹಾಂವ್ ಕಾಮಾ ಖಾತಿರ್ ಬೊಂಬಯ್ ಆಯಿಲ್ಲೊಂ.

ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಮಾತಿಯೆ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಯೆತಾನಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮಾಂಯ್ನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಏಕ್ ಹಜಾರ್ ರುಪಯ್ ದಿಲ್ಲೊ, ಆನಿ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ದಿಸಾಕ್ ಫಕತ್ ರು. 1-25 ಮ್ಹಜೆ ಲಾಗಿಂ ಉರ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಚಾಳೀಸ್ ಆನಿ ತೀನ್ ದಿಸಾಂನಿ ಎಕಾ ಹಜಾರ್ ರುಪ್ಯಾಚಿ ಮೋಡ್ ಜಾಲ್ಲಿ. ಹಾವೆಂ ಎಕಾ ನೌಕರೆ ಖಾತಿರ್ ಕರ್ಚಿಂ ಪ್ರಯತ್ನಾಂ ಸರ್ವ್ ನಿರ್ಫಳ್ ಜಾಲ್ಲಿಂ. ಲಾಖಾಂನಿ ಲೋಕಾಕ್ ಆಸ್ರೊ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ, ಹಜಾರಾಂನಿ ಲೊಕಾಚಿ ಭುಕ್ ಥಾಂಬಂವ್ಚ್ಯಾ ಬೊಂಬಯಾಂತ್, ವಾಣಿಜ್ಯ್ ಶಾಸ್ತ್ರಾಂತ್ ಪದವೀಧರ್ ಅನುಭವ್ ಜಾಲೊ. ಸಂತೊಸಾನ್, ಮೊಗಾನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಂತ್ ಆಜ್ ವಿಕಾಳ್ ಕ್ರೂರ್ ಪಿಡೆನ್ ಪ್ರವೇಶ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲೊ-ಜೇನಾಕ್ ಡೊನಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಕರುಂಕ್.

ಸಬಾರ್ ತೇಂಪಾಚ್ಯಾ ಪಿಡೆ ನಂತರ್ ಜೇನ್ ತ್ಯಾ ಎಕಾ ವಿಕಾಳ್ ದಿಸಾ ಡೊನಾಕ್ ಆನಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನೆಂಟ್ಯಾ ಬಾಳಾಕ್ ಸಂಸಾರಿಂ ಸಾಂಡುನ್ ಮರ್ಣಾ ಅಧೀನ್ ಜಾಲೆಂ.

ಹೆಣೆಂ ಡೊನ್ ಆನಿ ತೆಣೆಂ ವಿನು ವೆಳಾ ಕಾಳಾಕ್ ಆನಿ ಘಡಿತಾಂಕ್ ಶಿರಾಪುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ, ತರೀ ತಾಣಿಂ ದೆಕ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸ್ವಪಾಣ್ ಫಕತ್ ಅಧುರೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಉರ್ಲೆಂ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಏಕ್ ಕಾಮ್ ಮೆಳೊಂಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಘಡ್ಯೆ ಭಿತರ್ ರೈಲ್ ಗಾಡಿ ಯೇವ್ನ್ ಉಬಿ ಜಾಲಿ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಲೋಕಾ ಮಧೆಂ ಹಾಂವ್ ಘುಸ್ಲೊಂ. ಲೋಕ್ ಇತ್ಲೊ ಭರ್‌ಲ್ಲೊಕೀ ಮ್ಹಜೆ ಪಾಂಯ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಸ್ಪರ್ಶ್ ಜಾವ್ನ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂವ್ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಚಿಡ್ಕಾಲ್ಲೊಂ. ಸರ್ವಾಂಚ್ಯಾ ಘರ್ಷಣಾಂತ್ ಹಾಂವ್ ರೈಲ್ ಗಾಡಿಯೆ ಭಿತರ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲೊಂ.

ಆನಿ ಥಂಯ್ಸರ್ ಸಬಾರ್ ಥರಾಚ್ಯಾ ಲೊಕಾಚೆಂ ಮಿಲನ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಆನಿ ತ್ಯಾ ಸಬಾರಾಂ ಮಧೆಂ ಹಾಂವ್‌ಯಿ ಎಕ್ಲೊಂ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊಂ.

ಆನಿ ಸದಾಂಚ್ ಮ್ಹಜೆ ವಿಶಿಂ ಚಿಂತಾ ಕರ್ಚೊ ಹಾಂವ್ ಆತಾಂ ಸಬಾರಾಂ ವಿಶಿಂ ಚಿಂತಾಲೊಂ.

ಥೊಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಪುರಾಸಾಣೆಚಿ ಕಳಾ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಪಾಪ್ ಬಾಪ್ಡೆ ತೆ ಕುಟ್ಮಾಂ ಖಾತಿರ್ ರಾತ್ ಆನಿ ದೀಸ್ ಲೆಕಿನಾಸ್ತಾನಾ ಘೊಳ್ತಾಲೆ. [illegible]

ಪಾತ್ಶೆಣಿ ತರ್ ಸಬಾರಾಂಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕಾಮಾಕ್ ವಚೊಂಕ್ ಆಮ್ಸೊರ್.

ಥೊಡೆ ಜಣ್ ಪ್ರಕೃತಿಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಚಾಕ್ತಾಲೆ. ಆನಿ ಉರ್‌ಲ್ಲೆ ಚೊರಿಯೆ ಥಾವ್ನ್ ಚತ್ರಾಯ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ಸಬಾರಾಂಚ್ಯಾ ಗುಪ್ತ್ ಬೊಲ್ಸಾಂನಿ ಪಯ್ಶೆಂ ಸುರಕ್ಷಿತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಥೊಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಬೇಫಿಕಿರಾಯೆ ವರ್ವಿಂ ಪಿಕ್ ಪೊಕೆಟ್‌ವಾಲ್ಯಾಂಚಿಂ ಖಾಲಿ ಬೊಲ್ಸಾಂ ದಿಸಾಂ ದೀಸ್ ಭರ್ತಾಲಿಂ. ತರ್ ಪಯ್ಣಾರ್ಯಾಂಚಿಂ ಭರ್‌ಲ್ಲಿಂ ಬೊಲ್ಸಾಂ ಖಾಲಿ ಜಾತಾಲಿಂ.

ಲ್ಹಾನ್ ಹಾಸೊ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಉದೆಲ್ಯೊ.

"ಪುತಾ ಏಕ್ ಹಜಾರ್ ರುಪಯ್ ಆಸಾತ್. ಜಾಗ್ರುತ್ ಕರ್, ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ಪಯ್ಶೆ ದವರಿನಾಕಾ. ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಚಲ್ತಾನಾ, ಬಸ್ಸಾಂನಿ ವೆತಾನಾ, ರೈಲಾರ್ ಪಯ್ಣ್ ಕರ್ತಾನಾ ಚೊರಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಘಟ್ಟೊನ್ ಪಡಾನಾಕಾ" ಮಾಂಯ್ನ್ ಗಾಂವಾ ಥಾವ್ನ್ ಯೆತಾನಾ, ಬಸ್ಸ್ ಚಡ್ತಾನಾ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಉಗ್ಡಾಸಾಕ್ ಯೆತಾಲಿಂ.

ಆನಿ ಹ್ಯಾ 43 ದಿಸಾಂನಿ ಮ್ಹಜೊ ಏಕ್ ಹಾತ್ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್‌ಚ್ ಆಸ್ತಾಲೊ. ಪುಣ್ ಆಜ್ ತಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ.

ಟ್ರೈನ್ ಧಾಂವ್ತಾಲೆಂ, ಆನಿ ಹಾಂವ್ ಚಿಂತಾಲೊಂ... ಟ್ರೈನಾಚ್ಯಾ ಕರ್ಕಸ್ ಆವಾಜಾಕ್ ಮ್ಹಜಿ ಮತ್ ಹುಳ್ವುಳ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ತಿ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿ– 'ತುಜಿ ಪೊಕೆಟ್ ಭರೊನ್ ಆಸಾಜಾಯ್' ಮ್ಹಣ್.

ವ್ಹಯ್, ಮ್ಹಜಿ ಪೊಕೆಟ್ ಭರೊನ್ ಆಸಾಜಾಯ್!

ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ? ಕಶೆಂ?

ಥೊಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಂನಿ ಪಯ್ಶೆ ಭಾಯ್ರ್ ತಿಳ್ತೆ ಪಳೆವ್ನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂತ್ ಲಾಳ್ ಗಳ್ತಾಲಿ. ಟಿಕೆಟಿ ಖಾತಿರ್ ತಾಣಿ ಪಯ್ಶೆ ಕಾಡ್ತಾನಾ ತೆ ಪಳೆವ್ನ್ 'ತೆ ಪಯ್ಶೆ ಮ್ಹಜೆ ಜಾಲ್ಲೆ ತರ್ ಆನಿ ಥೊಡೆ ದೀಸ್ ಚಿಂತ್ನಾಂವಿಣೆ ಕಾಡ್ಯೆತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ' ಮ್ಹಣ್ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ.

ತ್ಯಾಟ್ರೆಯ್ನಿರ್ ಹ್ಯಾಗಡ್ಡೆಂತ್ ಸಂಪುರ್ಣ್ ಮನಿಸ್ ದಿಸಾನಾತ್‌ಲ್ಲೆ. ಸಬಾರ್ ತಕ್ಲ್ಯೊ ಥಂಯ್ಸರ್ ದಿಸ್ತಾಲ್ಯೊ. ಸಬಾರ್ ಹಾತ್ ವಿವಿಂಗಡ್ ಕಾಮಾಂನಿ ಮೆತೆರ್ ಜಾಲ್ಲೆ. ಸಬಾರ್ ವಸ್ತು ಅರ್ಧ್ಯೊ ಅರ್ಧ್ಯೊ ದಿಸ್ತಾಲ್ಯೊ.

ಆನಿ ಸರ್ವಾ ಮಧೆಂ ದಿಸ್ತಾಲಿ ತಿ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಚಿ ಪೊಕೆಟ್.

ಏಕಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾ ಥಾವ್ನ್ ಅರ್ಧಿ ಭಾಯ್ರ್ ತಿಳ್ತಾಲಿ ತಿ.

ಏಕಾ ಘಡ್ಯೆನ್, ಘಳಾಯೆವಿಣೆ, ತ್ರಾಸಾವಿಣೆ ಸಬಾರ್ ದುಡು ಜೊಡುಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಆವ್ಕಾಸ್! ಕ್ಷಣಾನ್, ಪುಣ್ ಚತುರಾಯೆನ್, ಅಂತಸ್ಕರ್ಣಾಕ್ ವಿರೋಧ್ ವಚೊನ್ ಕರುಂಕ್ ಆಸ್ಚೆಂ ಅಪಾಯಾಚೆಂ ಕಾಮ್.

ಹ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚೆಂ ತೋಂಡ್, ಜೀವ್ ಸಾರ್ಕೊ ದಿಸಾನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಪುಣ್ ತಿ ಪೊಕೆಟ್ ದಿಸ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ಗಡ್ಡೆಂತ್ ಸಬಾರ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಪೊಕೆಟ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲಿ.

ಮ್ಹಜಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಬಳ್ ಜಾತಾಲಿಂ. ಮನ್ ಘಟ್ ಜಾತಾಲೆಂ. ಹಾತ್ ಚತುರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಸುರು ಜಾಲೆ. ವೇಳ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾಲೊ.

ಹಾತಾ ಮಧೆಂ ಆನಿ ಪೊಕೆಟಿ ಮಧೆಂ ಚಡ್ ಅಂತರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ.

ಪುಣ್....!?

ಮನಾ ಆನಿ ಕೊಶೆಡ್ಲ್ಯಾ ಮಧ್ಲೊ ಅಂತರ್ ಚಡ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ.

'ಚೋರ್... ಚೋರ್...!' ಸರ್ವ್ ಲೋಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಬೊಟ್ ಜೊಕ್ತಾತ್ ತಶೆಂ ದಿಸ್ತಾಲೆ. ಸಬಾರಾಂಚ್ಯಾ ಮಾರಾಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಬಲಿ ಜಾತಾಂ ತಶೆಂ ಭಿರಾಂತ್ ದಿಸ್ತಾಲಿ.

"ನಾ, ಆಜ್ ಹಾಂವೆಂ ತಿ ಪೊಕೆಟ್ ಉಸ್ಕಾಯ್ಲಿ ತರ್ ದನ್ಪಾರಾಂ ಜೆವ್ಲಲೊಂ. ನಾ ತರ್ ಪೊಟಾಕ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಉಪಾಶಿಂ ಮರ್ತಲೊಂ. ನಾ, ಮರೊಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಆಶೆನಾಂ. ಹಾವೆಂ ಜಿಯೆಜಾಯ್. ಜಿಯೆಜಾಯ್ ತರ್ ಭಿಕ್ ಮಾಗಾಜಾಯ್. ಆನಿ ಭಿಕ್ ಮಾಗೊಂಕ್ ಎಕಾ ಭಿಮ್ಕರ‍್ಯಾಬರಿ. ಎಕಾ ಆಳ್ಶ್ಯಾಬರಿ ಮನ್ ನಾ. ಮ್ಹಜೆ ಹಾತ್-ಪಾಂಯ್ ಘಟ್ ಆಸಾತ್. ಪುಣ್ ಕಾಮ್ ಕರುಂಕ್ ಕಾಮ್ ಮೆಳಾನಾ. ಪುಣ್‌ತ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿಕ್ ಹಾತ್ ದೀಂವ್ಕ್, ತಿ ಆಪ್ಲಾವ್ನ್ ಮ್ಹಜಿ ಸ್ವಾಧೀನ್ ಕರುಂಕ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಥಂಯ್ ತ್ರಾಣ್ ಆಸಾ, ಅಖಂಡ್ ಧಯ್ರ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿಂತ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂ ವರ್ವಿಂ ತ್ಯಾ ಮನ್ಶಾಕ್ ಚಡ್ ಫರಕ್ ಪಡ್ಚೊ ನಾ. ಪುಣ್ ಹಾಂವ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಆಸ್ಚೊ ಏಕ್‌ಚ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಹೊ. ಹಾಂ...., ಹಾಂವೆಂ ಜಿಯೆಜಾಯ್!'

ಏಕ್ ಘಡಿ ತಿ...

ಆತಾಂ ಪೊಕೆಟ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಮಾಂತ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಜಯ್ತ್ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂವ್ ಜಿಕ್‌ಲ್ಲೊಂ. ಮ್ಹಜೆಂ ಹೆಂ ಕಾಮ್ ಬಹುಶಃ ಕೊಣೆಂಯಿ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ನಾ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ. ತ್ಯಾ ಗಡ್ಬಡೆಂತ್ ದೆವಾಕ್‌ಯಿ ದಿಸೊಂಕ್ ನಾ.

ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾನ್ ರೈಲ್ ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ.

ಸಬಾರ್ ಲೋಕ್ ದೆಂವೊನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ವಾಟೆಕ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೊ. ಆನಿ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಹಾಂವೀ ದೆಂವೊನ್ ಮುಕಾರ್ ವೆತಾಲೊಂ...

ಥೊಡ್ಯಾ ವೆಳಾ ನಂತರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚೆರ್ ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಚರ್ಲಿ. ಪಿಂಜ್ಕರ್ ಪೆಂಟ್ ತೆಂ. ಪರ್ನೆಂ ಏಕ್ ಶರ್ಟ್, ಹಾತಾಂತ್ ಕಟ್ಟಿಂಗ್ ಪ್ಲೇಯರ್ ಘೆವ್ನ್ ತಶೆಂಚ್ ತ್ಯಾ ಕಾಳ್ಯಾ ಹಾತಾಚ್ಯಾ ಬೊಟಾಂ ಮಧೆಂ ಸ್ಪಾನರ್ ಖೆಳಯಿತ್ತ್ ವೆಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚೆರ್ ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ಚರ್ಲಿ. ತಾಕಾ ಪಳೆವ್ನ್ ಕರುಣಾಯ್ ಭೊಗ್ಲಿ. ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಅಸಲ್ಯಾ ಕಾಮೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಗಾತ್ಯಾ ಸಂಗಿಂ ಇಸ್ಕೊಲಾಚ್ಯಾ ದೊರ್ಯಾರ್ ಬಸೊನ್ ತಮಾಷ ಕರ್‌ಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ನಾಕಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರೀ ಯೆತಾಲೊ.

ಬಹುಶಃ ತ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಕ್ ಬಿಡಿ ವೊಡ್ಚಿ ವೊಡ್ಣಿ ಆಯ್ಲಿ ಆಸ್ತಲಿ. ಲಾಗಿಲ್ಯಾ ಘುಡಾ ಆಂಗಿ ಭಿತರ್ ರಿಗೊನ್ ಬಿಡಿ ವಿಚಾರ್ನ್ ಅಂಗಡ್‌ಗಾರಾಂಕ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂ ಖಾತಿರ್ ಪೆಂಟಾಚ್ಯಾ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಸಾಸ್ಪೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೊ. ಮ್ಹಜಿ ದೀಷ್ಟ್ ನಾಕಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರೀ ತಾಕಾ ಪಳೆತಾಲಿ. ಆಯ್ವ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮ್ಹಜೆ ಆನಿ ತಾಚೆ ಮಧೆಂ ವಿಚಿತ್ರ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಎಕಾಮೆಕಾ ಮಧೆಂ ಏಕ್ ಭಾಂದ್ ಆಸಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ.

ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿಕ್ ಸೊಧುನ್ ತಾಚೆ ಹಾತ್ ಆತಾಂ ನಿರ್ಫಳ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಥಂಯ್ಸರ್ ತಿ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ!

ದುಬ್ಳ್ಯಾ ಘರಾ ಚೋರ್ ರಿಗಾನಾಂತ್ ಮ್ಹಳೆಂ ಘಟ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ತಾಚ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿಕ್ ಹಾಂವೆಂ ಹಾತ್ ದಿಲ್ಲೊ, ಆನಿ ಆತಾಂ ಪಯ್ಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್

ಪಳೆತಾಲೊಂ.

'ಛೆ! ಏಕಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾರ್ ಪಾಂಯ್ ದವರ್ನ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಪೊಟ್ ಹಾಂವೆಂ ಭರುಂಕ್ ಪಳೆಲೆಂ...'

ಏಕಾ ಘಡಿಯೆ ನಂತರ್...

ಏಕಾಕ್ ದೋನ್, ದೋನಾಂಕ್ ಚಾರ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಬರಿ ತ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚ್ಯಾ ಭಂವಾರಿಂ ಸಬಾರ್ ಲೋಕ್ ಜಮ್ಲ್ಲೊ.

ಆನಿ ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ತೊ ಬೊಬಾಟ್ತಾಲೊ!

"ಹಾವೆಂ ಕಷ್ಟಾಂನಿ ಜೋಡ್ನ್ ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ವಕ್ತಾ ಖಾತಿರ್ ಕಮಾಯಿಲ್ಲೆ ಪನ್ನಾಸ್ ರುಪಯ್ ಚೊರಿ ಜಾಲೆಮೂ ದೆವಾ" ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಅಕ್ರಂದನ್ ತೊ ಜಮೊ ಶಿಂದುನ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಂಕ್ ಆಪ್ಟಾತಾಲೆಂ.

"ಮ್ಹಜೆ ತಸಲ್ಯಾಕ್ ಧಗೊ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಕಠೋರ್ ಮನ್ ತಾಂಕಾಂ ದಿಲೆಂಯ್ಮೂ ದೆವಾ..." ಕಾಳಿಜ್ ಫಾಪ್ಸುನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ದುಃಖೆಸ್ತ್ ಆವಾಜ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹರ್ಧ್ಯಾಕ್ ಭಾಲಿಯೆನ್ ತೊಪ್ಲ್ಲೆಬರಿ ಭಾಸ್ ಜಾತಾಲೊ. ತ್ಯಾ ಜಮ್ಯಾಂತ್ ಸಬಾರಾಂನಿ ದಾಖಂವ್ಚಿ ದಯಾ ಮ್ಹಜೆರ್ ಉಳ್ಳಿ ರಾವೊನ್ ಕ್ರೋಧ್ ದಾಖಯಿಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ದಿಸ್ತಾಲಿಂ.

ತಾಚೆಂ ರಡ್ಣೆಂ, ತಾಚಿ ಅವಸ್ಥಾ, ಲೊಕಾಚೆರ್ ವಿವಿಧ್ ಪರಿಣಾಮ್ ಘಾಂಕಯ್ತಾಲಿ.

ಥೊಡ್ಯಾಂನಿ ತಾಚಿ ಭಿರ್ಮತ್ ಚಿಂತ್ಲಿ ತರ್ ಆನಿ ಥೊಡೆ ತಾಕಾ ಅನ್ಯಾಯ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಶಿರಾಪುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ.

"ಅಶೆಂ ಘಡ್ಣೆಂ ಬೊಂಬಯ್ ತಸಲ್ಯಾ ಗಾವಾಂತ್ ಸದಾಂಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ" ಸಬಾರಾಂಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂನಿ ಯೆಂವ್ಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ತರ್ 'ಫಟಿ ಸಾಂಗೊನ್ ಲೊಕಾಕ್ ಫಸವ್ನ್ ಪಯ್ತೆ ಕಮಾಂವ್ಚಿ ಏಕ್ ರೀತ್ ಹಿ'–ಥೊಡ್ಯಾಚೆಂ ತೀರ್ಪ್.

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾನಾಕ್ ಅಪ್ಟಾತಾಲಿಂ ತಿಂ ಲೊಕಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ದುಸ್ಮಾನಾಂಚ್ಯಾ ಗುಳ್ಯಾಂ ಪ್ರಾಸ್ ತೀಕ್ಷ್ಣ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲಿಂ.

ಆತಾಂ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾನ್ ತೀಕ್ಷ್ಣ ಜಾವ್ನ್ ಯೆತಾಲೆ.

ಮ್ಹಜೆಂ ದೊಳೆ ಗಯೆ ಜಾತಾಲೆ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ತೊಂಡಾಂತ್ ಉಲಂವ್ಕ್ ಸಕತ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿ. ಮ್ಹಜಿ ಮತ್ ಕುಂಬು ಜಾಲ್ಲಿ.

'ತಿ ಪೊಕೆಟ್ ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ದಿತಲೊಂ!

ಆನಿ ಮುಖಾರ್ ಹಾಂವ್ ಅಶೆಂ ಕರ್ಚೊಂನಾ!

ಆನ್ಯೇಕ್ಲ್ಯಾಚೆಂ ಖಾಣ್ ವೊಡ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಪೋಟ್ ಭರ್ಚೊಂನಾ!'

ಕ್ಷಣಾನ್ ಹಾಂವ್ ತಾಚ್ಯಾ ಲಾಗಿಂ ಸರ್ಲೊಂ. ಮ್ಹಜೆಂ ಹಾತ್, ಮ್ಹಜೆಂ ಪಾಂಯ್ ಥಾರ್ಯಾರ್ ನಾತ್ಲೆ. ಹಾಂವೆಂ ತಾಚೆ ಲಾಗಿಂ ಮಾಫ್ ಮಾಗಾಜಾಯ್. 'ಹಾವೆಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಅನ್ಯಾಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ಧಾಂವೊನ್ ಆನಿ ಮುಖಾರ್ ಅಶೆಂ ಕರುಂಕ್ ನಜೊ' ಹಾಂವ್ ಚಿಂತಾಲೊಂ. ಮ್ಹಜೆ ಪಾಂಯ್ ತಾಚೆ ಲಾಗಿಂ ವೆತಾಲೆ ಆನಿ ಆತಾಂ ತೆ ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾಲೆ. ಯಾಂತ್ರಿಕ್ ಥರಾನ್ ಯಾ ವಾಸ್ತವ್ ಜಾವ್ನ್ ಹಾಂವ್ ಚಿಂತುಂಕ್ ಸಕಾನಾತ್ಲ್ಲೊಂ.

ಎಕಾ ಕ್ಷಣಾಕ್ ತಕ್ಲಿ ಉಬಾರ್ನ್ ಜಮ್ನಾಚೆರ್ ದೀಷ್ಟ್ ಚರಯ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ.

'ನಾ. ಹಾಂವ್ ಶಿರ್‍ಕೊನ್ ಪಡ್ಲೊನಾಂ. ಹಾಂವ್ ಸತ್ ಸಾಂಗಿನ್ ತರ್ ಇತ್ಲ್ಯಾ ಜಣಾಂ ಮುಖಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಜ್ ಜಾತೆಲಿ. ತೆ ಸರ್ವ್ ರಾಗಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾರ್ತೆಲೆ. ಹಾಂವ್ ತಾಂಚೆ ಮುಕಾರ್ ಚೋರ್ ಜಾತಲೊಂ. ತೆ ಮ್ಹಾಕಾ ಚೋರ್ ಮ್ಹಣ್ ವೊಲಾಯ್ತೆಲೆ. ತಾಂಚ್ಯಾ ಮಾರಾಂಚ್ಯಾ ಘಾರಿಕ್ಣಾಕ್. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಅಂತಸ್ಕರ್ನಾಚ್ಯಾ ಕಾಂತವ್ಣೆಕ್ ಜಿಣಿಭರ್ ವಳಗ್ ಜಾತಲೊಂ. ತಾಂಚೆ ಮಾರ್ ಖಾಂವ್ಕ ಹಾಂವ್ ಸಕ್ಚೊಂನಾಂ'.

ಮ್ಹಜೆ ಥಂಯ್ ಮನ್ಶಾಪಣ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ, ವೆಳಾನ್ ತರೀ ತೆಂ ಜಾಗೃತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಬಚಾವೆ ಖಾತಿರ್, ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಮರ್ಯಾದೆ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂವೆಂ ಮನ್ಶಾಪಣಾಚಿ ಖುನ್ ಕರುಂಕ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ.

ಪುಣ್ ತಾಕಾಯಿ ಹಾಂವ್ ಅಸ್ಕತ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ.

ತಿಂ ಅಸ್ಕತ್ಕಾಯೆಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ದಾಂಬುನ್ ದವ್ರುಂಕ್ ಸಕಾನಾಸ್ತಾನಾ ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ಲೊಂ.

ಖಂಯ್ಸರ್!?

ಧಾಂವೊನ್ ಧಾಂವೊನ್ ಥಕ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜೆ ಮುಕಾರ್ ರಸ್ತೊ ಉತ್ರೊಂಕ್ ಶೆಂಬೊರಾಂನಿ ಲೋಕ್ ಉಬೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ಟ್ರಾಫಿಕ್ ಪೊಲಿಸ್ ಲೊಕಾಕ್ ಉತ್ರೊಂಕ್ ರಕ್ಷಣ್ ದೀಂವ್ಕ ರಾವ್ಲ್ಲೊ. ವಾಹನಾಂ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್ ಸುಮಾರ್ ಮಿನುಟಾಂಚೊ ವೇಳ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ಲಿ ಪೊಕೆಟ್ ಹಾವೆಂ ದಾಂಬುನ್ ಧರ್‍ಲ್ಲಿ. ಇತ್ಲಿ ದಾಂಬುನ್ ಧರ್‍ಲ್ಲಿ ಕೀ ತಿ ಚಿರ್ಡಾಲ್ಲಿ. ತಾಚೆ ಭಿತರ್ಲೆ ನೋಟ್ ಮುದೊ ಜಾಲ್ಲೆ. ಬಹುಶಃ ಪಿಂದ್ಲ್ಲೆ ಜಾಂವ್ಕಾಯಿ ಪುರೊ.

ಮ್ಹಜೆ ಹಾತ್ ಎಕಾಮೆಕಾ ಬಂಧಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆ. ಮೆಕ್ಳೆ ಕರುಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಅಸಮರ್ಥ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ. ತ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂ ಮಧ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಸ್ಲ್ಲಿ ತಿ ಪೊಕೆಟ್ ಮ್ಹಜಿಂ ನಕ್ಲಾಂ ಕರ್ತಾಲಿ.

ಹಾಡಾಂಮಾಸಾಥಾವ್ನ್ ಏಂಗಡ್ ಜಾವ್ನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆತಾತ್ ತಶೆಂ ಭೊಗ್ತಾಲೆಂ. ಗೊಮ್ಟಾಚ್ಯೊ ಶಿರೊ ಫುಟೊನ್ 'ಬುಸ್ಸ್' ಕರ್ನ್ ರಗಾತ್ ಭಾಯ್ರ್ ಉಸ್ಕೊನ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಆನಿ ತಾಚೆ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಲೋಕ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೆಬರಿ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ಆಸ್ವೊ ಎಕಾಮೆಕಾಕ್ ಅರ್ನೊನ್. ತಾಚೆ ಭಿತರ್ಲೆ ದೊಳೆ ಭಾಯ್ರ್ ಉಸಳ್ತಾತ್ ತಶೆಂ ಭಾಸ್ ಜಾತಾಲೆಂ. ದೊಳೆ ಘಡಿಯೆನ್ ರಗಾತ್ ಭರೊನ್ ತಾಂಬ್ಡೆ ಜಾಲ್ಲೆ.

ಹಾಂವ್ ವಾಸ್ತವ್ ಸಂಸಾರಾರ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊಂ!

ಸಲ್ವಣೆಚೆಂ ನಿಮಾಣೆಂ ಹಂತ್ ತೆಂ!

ತಿ ನಿಷ್ಠುರ್. ಶಿರಾಪ್ ಪಡ್ಲ್ಲಿ ಪೊಕೆಟ್ ಹಾಂವೆ ಭರ್‍ಲ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಉಡಯ್ಲಿ. ತಾಚೆಂ ಕೊಣೆಂಯಿ ಗುಮಾನ್ ಕರುಂಕ್ ನಾ. ತೆಂ ಗುಮಾನ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ತಸಲ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾರ್ ಲೋಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ ಆನಿ ಅವ್ಕಾಸ್ಯಿ ನಾತ್ಲ್ಲೊ.

ಹಜಾರಾಂನಿ ವಾಹನಾಂ ಥೊಡ್ಯಾಚ್ ವೆಳಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾತಾಲಿಂ.

ತ್ಯಾ ದಾಮಾರಾಚ್ಯಾ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ನಿರಾಧಾರಿ ಜಾವ್ನ್ ಪಡ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಪೊಕೆಟಿ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ಬಸ್ಸ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೆಂ. ದುಸ್ರೆಂ ವಾಹನ್ ತಿ ಪೊಕೆಟ್ ಫೆವ್ನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ರೊದಾಂ ಸಂಗಿಂ ಥೊಡಿಂ ಮೆಟಾಂ ಮುಖಾರ್ ವ್ಹರ್‍ನ್ ಸೊಡ್ನ್ ಗೆಲಿ ತರ್. ತಿಸ್ರ್ಯಾನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಟ್ಯಾಕ್ಸಿಚ್ಯಾ ರೊದಾಂ

ಪಂದಾ ಪಡೊನ್ ರಸ್ತ್ಯಾ ದೆಗೆಚ್ಯಾ ಮೋವ್ ಡಾಮಾರಾ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ಲಿ. ಹೆಂ ಕೊಣಾಕೀ ಕಳಿತ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ಪುಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್ತಾಲೆಂ.

ದುಬ್ಳ್ಯಾ ಮನಾಚ್ಯಾ ಘಾಮಾಂತ್ ಆನಿ ರಗ್ತಾಂತ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲಿ ಕಷ್ಟಾಂಚಿ ಜೋಡ್ ಆಜ್ ಭುಂಯ್ಚ್ಯಾ ಗರ್ಭಾಂತ್ ಲಿಪ್‌ಲ್ಲಿ.

ಆನಿ ಮುಖಾರ್!?

ಆನಿ ಮುಖಾರ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲೆಂ? ಆನಿ ಕಿತೆಂ ಜಾತೆಲೆ ತೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಕೊಣೀ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂಗಾ ಪರ್ಯಾಂತ್!

ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಥಂಯ್ ಹಾಂವ್-ಹಾಂವ್ ಜಾವ್ನ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊಂ.

ಮ್ಹಜಿ ಮತ್ ಸ್ತಬ್ದ್ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಪುಣ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ದಿಸ್ತಾಲಿ ಫಕತ್ ತಿ ಪೊಕೆಟ್, ವಿಂಗಡ್‌ಕಿತೆಂಚ್ ದಿಸಾನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ಪುಣ್ ಮ್ಹಜೆ ಕಾನ್ ಆಯ್ಕತಾಲೆ ತ್ಯಾ ದುಬ್ಳ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಚೆಂ ಅಕ್ರಂದನ್, ಲೊಕಾಚೆ ಚುರ್ಚುರೆ, 'ಚೋರ್. ಚೋರ್' ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಕೊಶೆಡ್ಯಾಚಿ ಬೊಬಾಟ್.

ಮ್ಹಜೆಂ ತೋಂಡ್ ಉಲಯ್ತಾಲೆಂ, "ದೆವಾ ಹಾಂವೆ ಚೂಕ್ ಕೆಲಿ, ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ಸ್"

ಹಾಂವ್ ಪಿಸಾಂತುರ್ ಜಾಲ್ಲೊಂ!

ಹಾಂವ್ ಧಾಂವ್ತಾಲೊಂ... ಆನಿ ಧಾಂವ್ತಾಲೊಂ. ಚಿಕಾರ್ ಭರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಾಹನಾಂ ಮಧೆಂ ಧಾಂವ್ತಾಲೊಂ..

ಪುಣ್ ತಿ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸಾನಾತ್ಲ್ಲಿಂ. ವಾಹನಾಂಚಿ ಕರ್ಕಸ್ ಆವಾಜಾ ಮಧೆಂ ಹಾಂವ್ ಶಿರ್ಕಾಲ್ಲೊಂ. ಪುಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಯ್ಕಾನಾತ್ಲ್ಲೆಂ.

ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಧಾಂವ್ಣೆಕ್ ಅಂತ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ. ಉದ್ದೇಶ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ. ಪುರಾಸಣ್ ನಾತ್ಲ್ಲಿ.

ಪುಣ್ ಹಾಂವ್‌ಧಾಂವ್ತಾಲೊಂ,

ಜಿಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಯಾ ಮರ್ಚೆಂ ಖಾತಿರ್!

ಯಾ

ಜೀವನ್ಮರಣಾ ಮಧೆಂ ಝುಗಡ್ಯಾ ಖಾತಿರ್...!

*** – ***

(ಕಾಣಿಕ್, 1988)

02
ಶಾವಾದಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

003
ಬ್ಯರ್ ಮುಖಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ವಿತಾ ಸೊಭಾಣ್ (ಜೊರ್ಜಿ ಜೀಂತ್ ಆಯ್ಕೊಳ್)
ಳೊ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

004
ಟ್‌ಪ್ರುತ್ಕಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಯ್ದ್ಯಾಟ್ಯೊ ಕವಿತಾ (ಎಚ್ಚೆಮ್)
ವ್ಹಳೂ ವ್ಹಳೂ ವ್ಹಾಳ್ ವ್ಹಾಳ್ಯಾ (ಆಂಡ್ರ್ಯೂ ಎಲ್. ಡಿ'ಕುನ್ಹಾ)

2005
ವಿಂಚ್ಣಾರ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಆನಿ ಭಗ್ಣಾಂ (ಜೆಮ್ಮಾ ಪಡೀಲ್)
ಸತಾಂ ಆನಿ ಖತಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಸರ್ಗ್ಗಾವಯ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ (ರೊನಾಲ್ಡ್ ಒಲಿವೆರಾ)
ಕಂಗಾಲ್ ಆನಿ ತಾಚಿ ಕುಕ್ಕೆಹಳ್ಳಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮೊತಿಯಾಂ ಆನಿ ತಾರಾಂ (ವವೆಸ್ತ್ ಕವಿ)
ಕವಿತಾಪಾತ್ – 1 (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)**

2006
ಪಾಟಂ ಗಾಂವಾಕ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಬ್ರಾಮುಣಾಂಚೆಂ ಚೆಡುಂ (ಎಚ್ಚೆಮ್)
ದರ್ಬಾರಾಂತ್ಲಿ ಪಿಂರ್ಗೊಣ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)**
ದರ್ಯಾಕ್ ಉದಾಕ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಸಾಗೊರಾಚ್ಯಾ ವಾಟೆಚ್ಯೊ ಝುರಿ (ವವೆಸ್ತ್ ಕವಿ)

2007
ಆಡೊಸಾಂತ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ (ಆಸ್ಟಿನ್ ಡಿ'ಸೋಜ್ ಪ್ರಭು)
ಆಟ್ವ್ಯಾ ರಂಗಾಚೊ ಧೊಣು (ಮೆಲ್ವಿನ್ ಜೆ. ವಾಸ್)
ಶಿಂಪಡ್ಲೆಲಿಂ ಮೊತಿಯಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮುಖಾಂ ಪಾಟ್ಲಿಂ ರುಪಾಂ (ಅನಿಲ್ ಪೆರ್ನಾಲ್)
ಮೊಳ್ಬಾವಯ್ಲಿಂ ಸ್ವಪ್ಣಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಕುಲ್ಕುಲೊ (ಸಿಜ್ವಸ್ ತಾಕೊಡೆ)
ತಿಂತೆರಾಂತ್ ಪಿಂತುರಾಂ (ವವೆಸ್ತ್ ಕವಿ)
ಕಾಳೊಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ಗಾಂವ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2008
ಮ್ಹೊಂವ್ ಆನಿ ಮೂಸ್ (ಮೆಲ್ವಿನ್ ಪಿಂಟೊ ನೀರುಡೆ)

2017
ಬಂಧ್ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)**
ಅಪವಿತ್ರ್ ಸಂಬಂಧ್ (ವಾಲ್ಟರ್ ಲಸ್ರಾದೊ)
ಸರ್ಗ್ಗಾವಯ್ಲಿ ಮಾಂಯ್ (ರೊನಾಲ್ಡ್ ಒಲಿವೆರಾ)
ಬಜಾರ್ (ಕಾನಡಿ ಲಿಪಿ: ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮುಗ್ದನಾತ್ಲಿಂ ಗಿತಾಂ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಮೊನಿ ಜೋಬ್ (ಜೋನ್ ಸುಂಟಿಕೊಪ್ಪ)
ಮುಖಾಮುಖಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)

2018
ಬಜಾರ್ (ನಾಗರಿ ಲಿಪಿ: ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಪಾಟಂ ಪರ್ತಲ್ಲಿಂ ಲ್ಹಾರಾಂ (ವಾಲ್ಟರ್ ಲಸ್ರಾದೊ)
ತಾನ್ (ಪ್ರಸನ್ನ [illegible])
ಬಾಯಿಲ ಬಮ್ಮಣು (ವಸುಧಾ ಪ್ರಭು)
ಪಡ್‌ಬಿಂಬ್ (ರಿಟಾ ಅಲ್ಬುಕರ್ಕ್)
ಸುಕ್ತಿ ಭರ್ತಿ (ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್)
ಕಾಳ್ಜಾ ಉಡಿ (ರೋಶುಬಾಬಾ, ಬಾರ್ಕುರ್)
ಚಾಬೂಕ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ (ರೋನಿ ಮೊಂತೆರೊ, ಕಟಪಾಡಿ)
ಪರ್ದ್ಯೊ ರೂಕ್ ಆನಿ ತರ್ನಿ ವಾಲ್ (ಎವ್ರಿ ಪಾಂಗ್ಳಾ)
ಶಿಮ್ಣಿ ಆನಿ ಹೆರ್ ಕಥಾ (ಸ್ಟೇನ್‌ರೊ, ಅಜೆಕಾರ್)

Dear Ronnie,

Congratulations on publishing your story book.
I have always admired your work and I am very happy on your achievement.
I pray to almighty to give you all the best things you desire. Looking forward to read more and more interesting publications

Best wishes from
DOMINIC PINTO & FAMILYDUBAI

Best Wishes For Ronnie Monteiro On His First Book On Short Stories

From: Qatargas Friends
Haje Abdul Nisar Amooty & Fly
Mohammed Bakaar& Fly
Syed Atheeq & Fly

Congratulations And Wishing Many Successes

Ashfaq Ahmed Chilmi
Global Modern Kitchens
Citywalk Boarding & Lodging, Mangalore.

Dear Ronnie,

Congratulations on publishing your story book.

I have always admired your work and I am very happy on your achievement.

I pray to almighty to give you all the best things you desire. Looking forward to read more and more interesting publications

Best wishes from

DOMINIC PINTO & FAMILYDUBAI

Best Wishes For Ronnie Monteiro On His First Book On Short Stories

From: Qatargas Friends
Haje Abdul Nisar Amooty & Fly
Mohammed Bakaar& Fly
Syed Atheeq & Fly

Congratulations And Wishing Many Successes

Ashfaq Ahmed Chilmi
Global Modern Kitchens
Citywalk Boarding & Lodging, Mangalore.

आशावादी प्रकाशन (२००२ थांव्न)

यद्वाहां जीवमी, अहमाशासे (जीव आसतासर भर्वसता)

२००२

आशावादी (वल्लि क्वाड्रस)

२००३

च्यार मुखां (वल्लि क्वाड्रस)

जिविता सोभाण (जोरजि पींत)

खिळो (वल्लि क्वाड्रस)

२००४

कट्टपुतळि (वल्लि क्वाड्रस)

कय्द्याच्यो कविता (एच्चेम पेरनाल)

व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या (आंड्य्रू डि कुन्हा)

२००५

विंचणार चिंताप अनि भग्णां (जेम्मा पडील)

सतां आनि खतां (वल्लि क्वाड्रस)

सरगावयलि मांय (रोनाल्ड ओलिवेरा)

कंगल आनि ताचि कुक्केहळ्ळि (वल्लि क्वाड्रस)

मोतियां आनि तारां (वेवेग्ळे कवि)

कवितापाठ – १ (वल्लि क्वाड्रस) **

२००६

पाटिं गांवाक (वल्लि क्वाड्रस)

बामुणांचें चेडुं (एच्चेम पेरनाल)

दरभारांतलि पिरगोण (वल्लि क्वाड्रस) **

दर्याक उदाक (वल्लि क्वाड्रस)

सागोराच्या वाटेच्यो झरि (वेवेग्ळे कवि)

२००७

आडोसांतलिं फुलां (आसटिन प्रभु)

आट्व्या रंगाचो धोणु (मेलविन जे. वास)

शिंपड्लेलिं मोतियां (वेवेग्ळे कवि)

मुखां पाट्लिं रुपां (अनिल पेरनाल)

मोळबावयलिं स्वपणां (वल्लि क्वाड्रस)

कुल्कुलो (सिजयेस ताकोडे)

तितेरांत पिंतुरां (वेवेग्ळे कवि)

काळोक नात्ल्लो गांव (वल्लि क्वाड्रस)

२००८

म्होंव आनि मूस (मेल्विन पिंटो नीरुडे)

२०१७

बंध (वल्लि क्वाड्रस) **

अपवित्र संबंध (वाल्टर लस्रादो)

सरगावयलि मांय (रोनाल्ड ओलिवेरा)

बजार (कानडि लिपि: वल्लि क्वाड्रस)

मुग्दनात्लिं गितां (वल्लि क्वाड्रस)

मोनि बॉब (जोन सुंटिकोप्प)

मुखामुखि (वल्लि क्वाड्रस)

२०१८

बजार (नागरि लिपि: वल्लि क्वाड्रस)

पाटिं परताल्लिं ल्हारां (वाल्टर लस्रादो)

तान (प्रसन्न निडडोडि)

बायिल बम्मुणु (वसुधा प्रभु)

पड्बिंब (रीटा आल्बुकर्क)

सुकती भरती (वल्ली क्वाड्रस)

काळजा उडी (रोशुबाबा, बार्कूर)

चाबूक आनी हेर कथा (रोनी मोंतेरो, कटपाडी)

परनो रूक आनी तरनी वाल (एवरी, पांगळा)

शिमटी आनी हेर कथा (स्टेनरो, अजेकार)

**कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमीचो पुरस्कार लाभला

चाबूक आनी हेर कथा

रोनी मोंतेरो, कटपाडी

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

7605
Sh Stories N→Dev
Rom

आशावादी प्रकाशन

आशावादी प्रकाशनाचो बावेचाळिसावो बूक

*'**Chabuk Ani Her Kotha**' - collection of Konkani Shortstories written by Ronald Monteiro Katapady, edited, transliterated to Nagari by Valley Quadras and published by Ashawadi Prakashan, Mumbai.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition	:	2018
Copies	:	500
Cover	:	Ashawadi
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Pages	:	176+4
Price	:	Rs.200
ISBN	:	9 788193 708682

For complete details of Ashawadi Prakashan, visit

www.ashawadi.com or Email at **ashawadi@gmail.com**

मांडावळ

- सुरविलीं उत्रां 4
- वळोक्र 5
- प्रसतावन 6
- अरपण 8

१. आंबोट दाको 9
२. खंयसर धांवणी 14
३. चाबूक 18
४. सिद्धांतां 22
५. प्रोफेसी 28
६. निचेव 34
७. समासम 40
८. टेबल नंबर १३ 46
९. उदेंतिचें मोड 53
१०. सेटिंग 59
११. क्रांटो आनी फूल 66
१२. तो वील.. 69
१३. डक्रायत 72
१४. एक्र पयण 77

सुरविलीं दोन उत्रां

मोगाळ वाचप्या,

म्हज्या मटव्या काणियेंच्या पयल्या जम्याक; 'चाबूक आनी हेर कथा..' तुमचेमुकार दवरुंक भोव संतोस भग्ता.

पार्टी पर्तून पळेनाना हें कशें साध्य जालें? म्हळ्ळें सवालयी उदेता.

आयच्या दिसा हांवें दोन प्रमूक मानेसतांविशीं दांबून म्हळ्ळेपरीं उल्लेक करुंक फावो. तांचेविणें हें काम खंडीत जावन असाध्य जातें. तांचेविशीं थोडीं भगणां तुमचे मुखार हाडुंक खुशी वर्ता. वल्ली क्वाड्रस कोंकणी साहितीक शेतांत हें नांव नेणासल्ले कोणयी नांत. सभार तीस वर्साधीं एका पत्रार पर्गटल्ली म्हजी मटवी काणी वाचून त्या वेळार हांवे जियेंवच्या हळ्ळेंतलें म्हजें घर सोधून म्हाका मेळुंक आयिल्लें घडीत केदिंच विस्रोंक सकानातल्लें जावनासा. म्हजी कथा तितल्या उंचल्या मट्टाचिगी या न्हय तें हांगासर गर्जेचें न्हय बगर वल्ली क्वाड्रसा थंय ल्हान प्रायेर थावन आसल्ली ती कोंकणी साहितीक अभिरूच आनी अभिमान आज पऱ्यांत ताच्या शिरां शिरांनी व्हाळच्या रग्तांत आसा म्हणच्याक हीच एक गवाय पुरो. मधेगात बरवपा थावन पयस सरल्ल्या म्हाका निदेंतलें जागवन परत बरवंक उत्तेजन दीवन लिखणेचें भीं पर्त्यान किरलाशें केल्ल्या ताका हांव जीणभर आभारी. ताच्या 'आशावादी प्रकाशनाखाल' हो बूक तयार जांवचो एक अभिमानाचो विशय जाव्यासा. ह्या बुकाच्या विन्यासाक, लिपियंतराक वल्ली क्वाड्रसान घेतल्ली वांवट हांव विस्रोंक सकचोना.

ह्या बुकाच्या काणियेंचो विमर्शक मानेसत किशू बार्कूर कोंकणेंतलें अन्येक महा वेक्तित्व. कथा या कविता. संगीत या गायज! तशेंच इलेक्ट्रोनीक माद्यमानी हाचो भोव मोटो पात्र. किशू म्हज्या ह्या बुकाचो मात्र न्हय, तीस वर्सां आदिंच्या त्या पयल्या काणियेथावन आज पऱ्यांत हऱ्येका बर्पांचो ताणे विमर्सो केला. आयच्या ह्या बुकांत कितें तरी वाचुंक योग्य म्हण तुमकां भगलें तर ताका प्रमूक कारण किशू जावनासा. एका उत्रान सांगचें तर वल्ली क्वाड्रसान हें 'भीं' वोंपलां तर किशून ताका उदक दीवन पोस दिल्ल्यान ल्हान मापान तरी आंकऱ्यो फुटोन आयल्यात म्हण म्हाका भग्ता.

उपकार मांदतां तुमचो; मानेसत आनी मानेसतीण हिलरी आनी लोर्ना पिंटो (अल-फरीस सर्फेस ट्रान्सपोर्ट) हाचे म्हालक तुमी दिल्ल्या मोव्या पाटिंब्याखातीर. तशेंच मोगाळ ईश्ट डोमिनीक आनी कुटमाक, ताणी दिल्ल्या सहकाराखातीर.

काणियो आयकोंक आतुराय दाखयिल्ल्या म्हज्या पतीण ज्योती, पुता डेल तशेंच सर्व म्हज्या कुटमा सांद्यांकयी हांव आभारी जावनासां, मुख्य जावन तुमी म्हजी वाचपी, म्हज्या हाताक धरून उभारल्ल्या खातीर उपकार तुमचो बावुडतां. तुमच्ये प्रतिक्रियेक, सल्हा-सुचनांक अत्रेगान राकोन आसतलों.

– रोनी मोंतेरो, कटपाडी

[मटवी वळोक]

काणियेगार आनी काणी

काणी म्हजी पयलिआवड, म्हज्या साहितीक भुग्र्यापणार सयत वेवेगळ्यो काणियो वाचून, तांतली खंयचियी काणी चड आवडली तर त्या काणियेगाराक सोधून वेची पिसाय आसली. सोधून गेल्ल्या काणियांगारां पयकिंत रोनी मोंतेरो सयत एकलो. अजीक तीस वर्साधली गजाल ही.

काणियेगार सयत एक वेगळोच संसार रचुंक सकची श्याथी आसचो कलाकार. काणियेगाराचो संसारच वेगळो देकून तो संसार खायस जाल्ले वाचपी त्या काणियेगाराक विसर्नांत. वाचप्याक एका थराचें थ्रील/मनरंजन दिंवची श्याथी रोनी मोंतेरोच्या काणियांक आसली.

रोनी मोंतेरो १९६९ इस्वेंत कटपाडिंत जल्मोन, मुळावें शिकप संपवन उपरांत मंगळुरांतल्या कर्नाटक पालिटेक्निकांत केमिकल इजनेराचें शिकप जोडून, 'बोंबे है', 'ओ. एन. जी. सी'च्या तेला स्थावरांनी काम करुंक लागल्लो हळतार कोंकणी काणियां शेतांतलो मायाग जालो.

उपरांत कांय लांब पंचवीस वर्सांनी तो गलफांत, सिरिया, अबुधाबी आनी खतारांतल्या तेला कंपणेंत वावर करुंक लागलो. ह्या पंचवीस वर्सांनी जाल्ली बदलावण म्हळ्यार तांत्रीक बदलावण, मोबायलां, फेसबूक अनी वाटसापान, संपर्क चुकलेल्या सभारांक एकामेका संपर्क कर्ची वाट तयार केली, अशी आमच्या 'कोंकणगार' पंगडांत कोंकणी काणियो आनी काणियेगारां विशीं जांवच्या भासाभासेंत रोनी मोंतेरो विशीं उल्लेक करून, ताचो संपर्क माग्ताना किशू बार्कुरान ताचो संपर्क करुंक मजत केली. अशें रोनी मोंतेरोन परत लिखणी हातीं धरली, पूण ह्या पंचवीस वर्सांनी ताच्या काणियांनी खूब जिण्ये अनभोग अनी वासतविकता झळताली. ताच्यो आयलेवारच्यो काणियो पयणारी.कोमचेर पर्गटल्यात.

सत्रा वर्सांच्या प्रायेर वेवेगळ्या कोंकणी पत्रांनी बरवन आयिल्ल्या हाच्या काणियांक साहितीक स्पर्ध्यांनी इनामां लाभल्यांत. 'तांबडो मनीस' हाची पयली कादंबरी बरयताना ताची प्राय एकुणीस. ही कादंबरी पंचू बंटवाळान 'अमर पबलिकेशन्स' चेर पर्गट केल्या. दुस्री कादंबरी 'झूज' कुरोव पत्राचेर पर्गट जाल्या.

रोनी मोंतेरोन पाटल्या पंचवीस वर्सांनी आपल्या जिण्येंत जोडल्लो अनभोग आनी शीकल्लीं लिसांवां खंडीत जावन फुडें ताच्या काणियांनी व्हाळोन येंवदी आनी हाचो भर्पूर फायदो कोंकणी काणियां शेताक लाभोंदी म्हळ्ळेच म्हजे आंवडे.

– वल्लि कवाड्रस
[आशावादी प्रकाशन]

रोनी म्हळ्यार काणी......

१९८६ अगोसत.

मंगळूर कर्नाटक पॅलिटेक्निकाक भर्ती जावन कांय दोन म्हयने उत्राल्ले. बार्कूर, शिर्वा, शंकरपूर, पेर्नाल, बेळमण गांव सोडन श्हराक येवन होसटेलांत, पेयिंग गेसट जावन रावतल्या आमचोच एक पंगड रुता जावन येतलो. आनी अचानक एक दीस इल्लो शिर्पुटोच, गोरो गोरो आनी आकर्शीक आमच्याच प्रायेचो एकलो क्लासीक आयलो. कटपाडिचो, क्रिसतांव, रोनी मोंतेरो म्हण कळ्ळे उपरांत सहज जावन आमी ताका विचारलें. "कोलेज सुरू जावन दोन म्हयने जाले, एदोळ पऱ्यांत खंय माती वावोवंक गेल्लोय?" आनी त्या दीस ताणें आमकां ती एक लांब काणी म्हण सांगोंक सुरुकेल्लें. त्या दीस थावन आज पऱ्यांत आमकां ताच्या इश्टांक ताच्या काण्यांचो बर्गोळ येवंक नां. ताच्या काणियांनीं आमकां बोर केल्लें म्हण नां. रोनी आसा म्हळ्यार काणी आसा म्हणंच.

उपरांतली होसटेलांतलीं तीन वर्सां, मागीर मुंबयत ब्यांड्रा हील रोडार, म्यांगलूर मिलाग्रीस क्लब, ब्यांड स्त्यांड, याट रेसटारां, गझेबो, लिंकिंग रोड, उपरांत उरान.. म्हज्या जिण्येचीं बोव मझेदार वर्सां ताच्या सांगातांत सारल्यांत. आनी ह्या सांगातांत ताचे भितरल्या काण्येगाराक हांवे देकलां. काण्येगार जावन ताची वाडावळ हांवे पार्किल्या.

पयलें होसटेलांत आमकां काण्यो सांगोन आसल्ल्या ताणें उपरांत काण्यो बरवंक सुरू केलें. तो होसटेला थावन अशेंच हंपनकाव्याक वचोन आयल्यारी एक चार काण्यो तरी आसतल्यो. आमकां कांय विशेस दिसानासल्या संग्तिनीं आनी घडितानीं ताका काणियो दिसतल्यो. राकणो आनी काणीक आनी झेलो पत्रार ताच्यो कायं काण्यो व्हाळोंक लागल्यो. साहितीक स्पर्ध्यानीं इनामांय कायं जालीं. जिण्येक एक फ्रेम घालन देकची आनी पार्कुंची सकत ताका तवळच आपलेसतकीं आसल्ली. तवळ थावन आज पऱ्यांत, बोवश्या ताच्या काणियांचो पयिल्लो वाचपी हांवच. तवळच फायस जाल्ल्या ताच्या दोनी कादंबरेंचो (तांबडो म्हनीस आनी झूज) मूखपानांचो चित्रकारय हांवच. ताची आनी म्हजी ही सळावळ जाणासोनंच वल्ली क्वाड्रसान म्हाका हीं सुर्विलीं उत्रां बरवंक अवकास दिला म्हण हांव चिंतां आनी ह्या पासत वल्लीक आनी रोनीक म्हजे दिन्वास.

होसटेलांत आमचोच एक पंगड आसल्लो तरी म्हजी आनी रोनिची इश्टागात इल्ली चडच दाट जावंक काणी, कादंबरी आनी सिनेमा तसल्या संग्तिनी आमकां आसल्ली चडीत उत्सुकाय आनी आसक्त. वाचल्ल्या बुकांविशीं चर्चा, सांगाताच सिनेमा पळेंवचें उपरांत त्या विशीं उलंवचें आमकां पसंदेचें. आनी तवळच ताणें काणियो बरवंक सुर्वातलें.

ताच्यो सुर्विल्यो काणियो, 'कांटो आनी फूल', 'तो वील', 'फारिकपण', 'एक पयण', तसल्यो काणीक झेलो पत्रानीं फायस जाल्ल्यो, तवळ फायस जावन आसच्या हेरां काणियां शयलेपरास वेगळ्यो आनी कुर्कुरीत आसल्ल्यो. तीस वर्सां आदीं बरयिल्ल्यो त्यो आतां वाचतानां विशेस म्हण भोगच्योनांत. पूण तवळच्या परिगतेंत खंडीत जावन तवळच्या कोंकणी वाचप्यांचेर आपली म्होर मारुंक पावल्ल्यो. स्पर्ध्यानीं इनामां आपणावंक पावल्ल्यो.

तीस वर्सांनीं संसारार चिंतुंक जायनातल्ली बदलावण जाल्या आनी खंडीत जावन कोंकणी काणियांशेतय पुर्तें बदल्लां. आनी हांगासरय जायतो व्हाळो वाळ्ळा आनी त्या व्हाळ्यातेकीत रोनिच्यो काणियो बदलोन आयल्यात. शयली बदल्ला, विचार बदल्ल्यात आनी जिण्येंत वाडोन आयिल्लो रोनी आपल्या काणियांनिंय वाडोन रावला. सुर्विल्या ताच्या काणियांनीं काल्पनीक सन्निवेशां चडीत आसतानां आयलेवार ताणें बरयिल्ल्या काणियांनीं ताचो जिण्येअनभोग खूब दिसता. रावल्लेकडेंच उरोन मट्टी जायनासतां जिण्येंत तशें काण्यानीं तो अपग्रेड जायीत आयला तें कळता.

पूण ह्या वाडावळेंतय एक बोरी काणी कशी आसाजे म्हळ्ळेविशिंची टेक्सटबूक रेग्रो तो शिसतेन पाळन आयला. एक उत्सुकायेची सुर्वात, गुमान वोडन दवरून घेवंक सकचें बिलडअप आनी वाचप्यान चिंतुंक सकानातल्लें कुतूहलभरीत अंत्य ताच्या हऱ्येक काण्येंत ताणें सांभाळ्ळां. सुर्वेच्या काण्यानीं थोडेगडें हें जबरदसतेन केलां म्हण भोग्ता तर, आयलेवाच्र्या काणियानीं हाचेर संपूर्ण नियंत्रण ताच्या जिण्येअनभोगान ताका दिलां.

हांवे पयलें सांगल्लेबरीं ताका जिण्येक फ्रेम घालन पळेंवची ताकत आसा. हेरांक कांय नंय म्हण दिसच्या संग्तिनीं ताका काणियो दिसतात. ऊरल्ल्यांक कांय भोगानासच्या संग्तेंतले वेगळेंपण तो पार्किता आनी त्या विशीं कांय शेर्मांव सांगचेबदलाक तो आनी एक काणी बरयता आनी वाचतेल्याक शेर्मांवापरास काणी चड समजाता. 'खुर्साय ताका, खुर्साय' ह्याच थराची एक काणी.

'आंबोट दाको' ह्या पेळ्यांत म्हाका मसत आंवडल्ली काणी. वेवेगळ्या देसांनी तरी हांव आनी रोनी एकाच थराच्या शेतांत काम कर्तांव. ह्या काणियेंत रोनी आपणाकच आनी आपणाबरिंच आसच्या हेरांक आस्येतासल्ल्या हंकार आनी भोगच्या आपलेंपणाचेर एसीड वोत्ता आनी तें कर्गून सोडता. आमचो हंकार आनी दवलत कितली हास्यास्पद तें बोव मार्मीक रितीर दागून दवर्ता. काण्येच्या सुर्वेर हर्धें फुलवंक सुरुकेल्ल्या म्हाका, काण्येच्या अखेरीक खंयच्या गूंडायेक शेवटायलें तें सांगोंक कश्ट. थोड्या दिसांक तरी म्हाका अस्वस्थ केल्ली काणी.

ह्या पयलेंच सांगल्लेबरीं बऱ्या काण्येगारान पाळिजे जाल्ल्यो रेग्रो रोनी आल्तार भुर्ग्याबरीं पाळन आयला. तशें जाल्ल्यान ताची खंयचीय काणी ही बरी नां म्हण काडन उडवंक जांवची नंय. ताणें बरयिल्ल्यो पूराय काण्यो ह्या पेळ्यांत नांत. वल्लीन खूद सोधून आनी कांय 'टेबल नंबर १३' तसल्यो काणियो रोनीन परत बरवन हो पेळो आयतो जाला. तो संयभान काण्येगार. 'थ्रिल्लर' कथाकार. चडीत हांवे कांय सांगाजे म्हण नां तें ह्यो काणियो वाचताना तुमकांच कळतेलें.

पूण ह्या रेग्रांविणेंय बऱ्यो काण्यो बरव्येत तें बदलून आयिल्ल्या साहितीक संसारांत, कोंकणेंत आनी हेर भासांनीं, आमकां दिसता. जयंत कायकिणी, एच्चेम पेर्नाळ, एंटनी बार्कूर, तसल्यानीं आपल्या *Open ended* मटव्या काणियांनीं एक नवोच प्राकार रुता केला. रोनीन ह्या प्राकाराचोय प्रयोग आपल्या मुकल्या काणियांनी कर्चें पळेवंक/वाचुंक म्हाका तरी जब्बोर आशा.

ह्या काणियेपेळ्या पाटल्यान वल्लिचो कितलो वावर आसा तो बोवश्या आमकां कोणायकी अंदाज घालुंक जायना. वल्ली आनी ताचो खळमीत नातल्लें कोंकणी मिसांव, ताचें *Never say die attitude* म्हाका अज्याप कर्ता. आनी असलीं कामा तो एकलो मात करुंक सक्ता.

रोनिच्या काण्यांचो बूक कितल्यागी वर्साफुडेंच येजे आसल्लो. थोड्या वर्सां आदीं हांवेय ह्या दिशीं प्रेतन केल्लें आनी म्हजी नंय तरी, म्हज्याच चुकिबरीं रोनीन जमो कर्न दिल्ल्यो सर्व काणियो हांवे होगडावन घेतल्यो. पूण आतां घळायेन तरी, रोनिच्या काण्यांचो हो पेळो छाप्याक वेतानां, तोपीत धोसून आसल्लो एक कांटो काडन उडयिल्लो आनी एक अधुरें सपण साकार जावन येंवचो सुशेग म्हाका भोग्ता आनी रोनीक आपल्या फुडलद काण्यांपेळ्याचे परबीं पाटयताना, परत एक पावटीं वल्लीक दिन्वासतां.

देव बरें करूं.

– किशू, बार्कूर.

7.11.2018

अबुधाबी.

अरपण

दे। बासील लारेन्स मोंतेरो

अलीस मोंतेरो

धन्या देवाक अर्गां दीवन म्हजो हो पयलो मटव्या काणियांचो जमो **'चाबूक आनी हेर कथा'**, अपल्या तन्यां प्रायेर अंतरल्ल्या पप्पाक तशेंच, कश्टांनी तरी बरे रितीर म्हाका बरें शिकप दीवन भद्र फुडार भांदुंक कारण जाल्ल्या मांयक, मोगाची काणीक जावन हांव म्हज्या कुटमासवें अर्पण कर्तां.

– रोनी मोंतेरो, कटपाडी.

आंबोट दाको

विमान धर्णीक खोट मारून व्हडा आवाजान वाऱ्यार उबोंक लागल्लें, तेत्तीस-पांत्तीस हजार फुटी वयर आमीं उबताल्यांव. सुमार साडेतीन वोरांची आमची उबणी आसतेली आनी ह्या वेळार खाण-पिवन मेळतेलें म्हण गगन सखीन पयलेंच विवर दिल्लो. टैलविंड आमच्या कुमकेचें जाल्ल्यान निगदीत वेळाचाकी पयलेंच आमीं पावतेल्यांव म्हण क्यापटनान कोकपिटा थावन उलो दिल्लो.

सीटबेल्ट काडचो संकेत नपंयच जाताच हांवे गगन सखीक उलो मारलो.

"एक्सक्यूज मी मेडम, डब्बल पेग्ग ओन द रोक्स", म्हज्या हिश्याऱ्याक पाळो दीवन तिणे जागो खाली केलो. थोड्याच घडियानीं म्हजे सामकार विसकेचो ग्लास आयतो जाल्लो. हांव सराग पयण कर्चो व्यक्ती म्हण समजोंक तिका चड वेळ लागलो ना.

"तीन पेग्ग ओन द रोक्स, आनी एक मटवी नीद, दोळे उग्ते कर्ताना... मुंबय. मतिंतच गुणगुणलो हांव, पांयशीं वयर उबण्यो....!!! चिंतून आन्येक घोट मारलो.

मंद हासो म्हज्या वोंटा मधें उदेल्ल्यो, स्वाभिमानान म्हजें हर्दें फुलोन येता तसें भगलें. हजारो फुटीं वयर उबताना म्हजे दोळे दर्णीर चरले. अंत्राळा थावन जिळमिळचे अभुदाभी शहराचे वीज दिवे क्रमेण नपंयच जाताना, गलफाच्या दऱ्या तेवशीं पावल्ल्यांव.

शांत सागोरा मधें थैं थैं उभी आसल्ल्या तेलास्थावरां थावन उज्या जिबो निरंतर उज्वाळताल्यो. भंवती एक उज्वाडाचें वर्तूल रुतां जाल्लें, आनी ह्या वर्तुला भितर उदेवन येंवची दऱ्याचीं ल्हारां दुदाच्या झरी बरीं दिसतालीं. आनी ह्या उज्याच्या दिवटोणी पंदा वीज दिव्यां संगी झिळमिळच्या हळदुव्या रंगाच्या पायपानीं, बरयिल्ल्या अस्पश्ट अक्षरांक सोधुंक लागलों. हांवें काम कर्च्या घटकाक सोदचें प्रयत्न म्हजें सुफळ जालेनां. वोंटा मधें उदेल्ल्या हास्यां मधें अभिमान म्हजो उटोन दिसतालो.

"तेवीस लांब वर्सां"....., विसकेचो दुस्रो ग्लास हांवें खाली केल्लो. लगबग एका महिन्या उपरांत घेंवच्या विसकेच्या पर्मळाक नाकाचीं फुडां रूंद जाल्ले बरीं भास जालें. लांब काळा उपरांतलें पीवन जाल्ले वर्वीं ताळांतल्यान पेंटाक देवोंक थोडे कश्ट भगले तरी एका महिन्याच्या सुटकेचो आनंद भगलो. ह्या तेवीस वर्सांनी जायती बदलावण जाल्ली...

कंट्रोल रूमांत बसोन हजारों फुटीं धर्णी पंदल्या कच्चा तेलाक भुंयचेर हाडचें काम म्हजें जावनासल्लें. हेलिकोपटरार भंवचें इतलें सदांचें जाल्लें की गांवांत तितलें हांव रिक्ष्यार पऱ्यांत बसल्लों नां. वयरलेस गांवांत पेंलिसानीं मात्र उपोयग कर्चें पळेल्लें तरी आमचें सदां वापार्चें प्रमुख्य साधन जाल्लें. जेवणाची ग्रेसतकाय सांगचे बरीं नातल्लें. गांवचो लोक नशीब म्हजें खंडीत बरें आसा म्हणताले. पूण म्हज्या चिंत्पा प्रकार बुद्वोंत्काय आनीं घट्ट मिन्हत म्हज्या जिण्येंत प्रामूख पात्र खेळल्ले. नां तर सेजार्चो विकटर म्हज्या वर्नीं चड ग्रेसत जावनासल्लो तरी आज इलेकट्रिशियन जाल्लो. शिकपांत म्हज्या प्रास हुश्यार आसल्लो प्रकाश कामत आज आंगडी बसोन तांदूळ मेजतालो, सक्कड भुर्ग्यां प्रास पयलें सायकाल शीकल्लो सुरेशा आज वायन शोपांत काम कर्तालो. ते सर्व आपल्या नशिबाक दुर्सताले.

विकटर, प्रकाश आनी सुरेशा हे तेग मात्र न्हय सभार म्हजे क्लास्मेट आसल्ले. कोणी म्हज्या प्रास मुखार पवोंक नांत, चड म्हळ्यार डिग्री कर्न माध्यम वर्गाच्या अफिसानीं कामाक लागल्ले.

आनी हांव... अंतराषट्रीय तेला कंपेनिंत कामाक पावल्लों.... कोणगी शाभसकी दीवन म्हजी पाट थापुडता तसें भगलें. "धर्णीर नां तो, ताका पयश्याचीं रूच लागल्या" अशें म्हज्ये विशीं उलंवचें आयकाल्लें हांवें.

हाणी कितलीं उडकाणा घल्यारी म्हज्या बराबर जावंक ह्या जल्मांत साध्य जांवचें ना. म्हजे समासम रांवचें हर प्रयत्न तांचें निर्फळ जाल्लें. आपणाकच समादान करुंक तीं म्हजें थैं उणेंपण सोधताले. म्हज्या गोडश्या जिण्येंत आंबोट रूच हाडुंक ते रात्ताले.

चवत्या क्लासिंत सेलीन टिचरीन विवर्शिल्ल्या "कोलो आनी दाका घोस" काण्येचो उगडास माका हाडैतालो. उंचायेर उमकळच्या दाकांच्या घोसाक अपणावंक हजार प्रयत्न केल्लो कोलो "आंबोट दाको" म्हण अपणाकच समादान केल्ली स्थिती जाल्ली हांची सर्वांची.

"थोड्याच वेळान मुंबय अंतराषट्रीय विमान निल्दाणांत देंवतेल्यांव" ध्वनी वर्दका थावन चलियेचो सुमधूर ताळो आयकाताना, हांवें आखरेचो घोट मार्न ग्लास मुखल्या सिटी भितरल्या पेंकेटी भितर चेपलो. आतां आंत्रळार भरल्लो काळोक उणे जावन तांबडो मिश्रीत उज्वाड दिसोन येतालो.

विमान उंचाये थावन देंवताना, मुंबय महानगराचीं उंचायेचीं भांदपां आपलें आसतित्व पाचार्तालीं. पश्चिमाच्या कोनश्या थावन जिवदाळ चरोन आयिल्ल्या बरीं लोकल ट्रैनी हजारो लोकांक आपल्या दिस्पोडत्या कामाक पावयतालीं, आनीं ट्रैनिंचें पेंट फुटोन म्हळ्ळयाबरीं बागलर उमकळच्या लोकां म्हधें सर्टिफिकेत्यो घेवन येजेंटाच्या ओफिसांक दांवट काडचें दृश्य म्हज्या मती पडद्यार उदेनासतां रावलेनां.

चंद्राच्या उज्वाडा म्हधें व्हाळचो म्हेळ्या उदकाचो वाळो आनी ताच्या तडीर आसचीं काट झडां वयर थावन सोबतालीं तरी म्हेळ्या उदकाची घाण आजून जिवी आसल्ल्या बरीं भग्तालें. विमानाचीं रोदां उग्ती जांवच्या आवाजा संगीं जेरिमेरिच्या झोपड्यांची तगडां झळकोंक लागलीं. आनी त्या म्हधें दादले आनी स्त्रियो, उग्त्यान रैलवे पाट्यार कुडिची गर्ज तिर्सुचें तें दृश्य मतीक येनासतां रावलेनां. कषटांचो काळ तो... आसें उग्त्या म्हेळ्या म्हधेंय वाट करून चमकल्ले आनी कंट्री सोरो मारल्ले दीस कांय नवे न्हय आसल्ले.

ते दीस आनी हे दीस......! कितली तफावत....

गांवच्या कूडांत वसती केल्ले दीस ते कांय सुलभायेचे नातल्ले. एका तेंपार फकत्त टेक्सी ड्रायवर आनी होटेलानीं काम कर्न सांजेचें कंट्री मार्न झगडच्या बेब्यां संगीं रावोन फुडार बांदचें सलीस नातल्लें. पूण आज कषटांचो फळ लाभल्लो. मुंबयच्या त्या जिण्ये विशीं चिंताना कांटाळो येतालो. ह्या दिसानीं खंच्याय कारणा खातीरयी एका दिसा वयर मुंबंयत हांव रावोंक नां.

सकाळीं साडेसात वरार जाग जाताना होटेल रुमाथावन भायर येवन सिग्रेट झळयली. दुंवर वाऱ्यार सोडताना कुडिंत एकाथराचो जिवाळ भरलो. सभार तेंपा थावन राकोन आसल्ली

घडी लागीं पावल्ली.

'नताशा...'

आज सभार वर्सां उपरांत ताका भेटचो आवकास उदेल्लो. ताका पळेनासतां कांय एकवीस वर्सां जाल्लीं.

प्रसतूत सामाजीक संपर्का मारिफात (सोशियल मिडिया) भाराव्या क्लासिंत शिकल्ल्या सांगात्यांक मेळचो (री युनियन) म्हण निर्धार जाल्लो. आसली मांडावळ ह्या दिसानीं फेशन्सें जाल्लें. आनी ह्याच्च माध्यमाध्वारीं सोदनांच्या प्रयत्नान नताशाचो संपर्क लाबल्लो. फेसबूक आनी वाटसआपन संसाराची नक्षाच बदलिल्ली. विस्रोन गेल्ली वळक परत जिवी जाल्ली. आसें नताशाक मेळचो अवकास जाल्लो.

'नताशा रेगो' तर्नाटपाणाच्या दिसानीं म्हज्या काळजांत एक कोन्सो कर्न रावल्ली चली.... काळजांतलो मोग उत्रानीं उचारुंक हांव सकल्लों नां. बहुश्या ताच्या नेगार्पणाक हांव भिंयेल्लों जावंक पुरो, या ताच्या मध्यम वर्गा आनी म्हज्या दुबळ्या वर्गा मदल्या अंतराक शिर्काल्लों जावंक पुरो. असल्या अडकळीं मधें आडचोन आसताना आचानक एका दिसा नताशाचें काजार जाल्लें. ताणे मुंबयची वाट धरल्ली, आनी हांव म्हजे वाटेर.....

आनी थोडिंच वर्सां ताणे म्हाका राकल्लें तर.....?

म्हजे थैं मात्र ताचे विशीं भगणा आसल्लिंगी या ताकाय म्हजें थंय वोडणी आसल्ली?. हें सवाल सभार वर्सां थावन धोसतालें मात्र न्हय एक दीस ताका भेटोन उचार्तालों म्हण हांवें निगंट केल्लें.

बहुश्या आज तो दीस आयिल्लो....

नताशान बेंड्रा रैलवे स्टेशनालागीं साडे आट वरार मेळोंक सांगल्लें. व्याक्षी निगदीत जाग्या तेवशीं दांवताना म्हजीं चिंत्नांय ताअचे संगीं वाळोंक सुरू जालीं.

नताशाक प्रभावीत करुंक मोलादीक सुगंध द्रव्यान वसतूर पर्मळतालें. अबुधाबी ड्युटिफ्री थावन भुर्ग्यांक विदेशीं चोकलेटां हाडल्लीं. मुंबयत कोण इतलें मोल दीवन हाडतात..?

नताशा संगीं इषटागात मुंदर्सुंक सुमार पंचवीस हजारांची गिफ्टां हाडल्लीं.... खंडीत जावन नताशाक सांताकलोस आयिल्ल्या बरीं भगोंक पुरो... लोकाटो काळजाक दांबून धरलो. नताशाक गलफाचो नोवरो फावो जातो आसलो ह्या मुंबयच्या कुसाडाये थावन सुटका आसती आसल्ली. रेसटोरेंटा आनी शोप्पिंग मोलां हांचा चिंत्पा भाऱ्य आसा... बहुश्या म्हाका मेळचे खातीर रजा गाल्या दिसता, मुंबंयत रावाजाय तर दोगांयनी काम करिजाय.. सर्वांक तेला कंपेनिंत काम कर्चे नोवरे मेळतात..?

सांगल्ल्या जाग्यार हांव पावल्लों.. नताशा म्हज्या वर्नी पयलें थंय उभें आसल्लें. आजून तें पयलेंच्या बरिंच आकर्शीत दिसतालें. मुंबयच्या राटावळी जिण्ये मधेंय चडीत धणसुंक नातल्ले बरीं भास जातालें.

"आसल्ल्यांतच बरें ड्रेस्स नेसलां दिसता माकाय 'इंपरेस्स' करुंक सोडन दिवंक ना ताणें..."

आपल्या घरा आपयताना ताका ना म्हणोंक जालेनां. ताणेंच टेक्सेक हात कर्ताना

इंडिका टेक्सेच्या सर्दार्जीन मिटर डावन केलें. 'ही टेक्षिगी डब्बोगी... बहुश्या मोंबयगारांक हाची सवय आसा... ए.सी. य ना आसतेली.'.. म्हज्या उत्रांक नताशान हासोन जनेलांतल्यान भायर चोयलें. डिसील गाडी.. व्हड आवाज कर्ता... म्हजी गाडी टोयोटा... कितेंच आवाज करिना..... ए.सी. नासताना जायना...

मुंबयच्या रसत्यांक जाय जाल्ल्यो टेक्सी जोनी... भाय साब... मिलन सब वे... नताशान सांग्ताना... परत मुंबयची नक्षा म्हज्या मती पडद्यार जिवाळ जाली.

मुंबंयत गाडी घेंवच्याकी रिक्षार या चलोन वेचें अधीक बरें, वेगीं पांवची गारेंटी आसा..! पार्किगांक जागो रसत्या देग... पावसांत सांगचेंच नाका... मुंबय विशीं तात्सार म्हजें थैं झळकतालो. गलफाच्या जिणेयेन माका प्राभावीत केल्लें.

"वेरी इंटरेसटिंग... मुंबय विशीं सर्व जाणांय तूं... तुजे विशीं कांय सांगोंक नांय तुवें... नताशान म्हजे वेशीं जाणा जांवची आतुराय दाखयली.

"मटव्यान सांगचे तर पाटल्या तेवीस वर्सांनी जायतें पळेलां... ह्न्येका महिन्याक म्हळळे बरें वाऱ्या उबण्यो केल्यात... जाय तितलें जोडलां... आपायभरीत काम जाल्ल्यान जायते पावटीं चालेंजस घेतल्यात... धर्णी आनी आनीं दऱ्यांत मर्णा मधें आशीर अंतरार जियेलां....."

तुजेवशीं कितेंच सांगोंक नांय तुवें... तुजो नोवरो खंय काम कर्ता...? तितल्यार आमीं नताशाच्या विळासाक पावल्ल्यांव. टेक्से भाडें हांवें दीवंक हात वेलो तरी नताशान म्हजो हात पाटीं लोटून पांयशीं रुप्यांचो नोट वोड्डुयलो ताणे.

मुखलीं थोडीं क्षणा पाशार जाल्लीं.... म्हजी चिंत्या सक्त आतां स्तब्द जाल्ली.... हांव नताशाच्या फ्लेटाच्या बाल्कानीर उबो आसल्लों. बावीस माळ्येचें सेंट्रल ए.सी. आसोन मोळबाक चुंबन दिंवचें बिलडिंग तें.... चार एकच सार्कीं भांबपां तीं.... मुंबंयत असलीं भांदपां हांवें चिंतुंक नातल्लीं. त्या चार बांदपां मधें सविसतार सुवातेर सोबीत रितीर वाडायिल्लें गार्डन... आनी मधेगात वेशाल स्विम्मिंग पूल...!

नताशा आपल्या पती लागीं फेंनार उलयतालें.... एकाचफरा "ऐ-फेंन ७" म्हळळो उदगार म्हज्या वोंटार उदेलो.... हांवें हाडल्लें सेम्संग एस्५ पाटीं लोटून चोकलेटांचो बोक्स भुर्ग्यां खातीर म्हण ताच्या हातांत दिलो..." हें पुरा नाका जोनी.... तुज्यां भुर्ग्यांकच दवर... आमचीं भुर्गीं चोकलेटां खायस करिनांत... पाटल्या दिसानीं म्हज्या पतीन हाडल्लीं थैं फ्रिज्जांत आसात... म्हणताना हांव तटक्क जाल्लों..."" हूं सिंगापूर.. बरो जागो" म्हण उत्रां गुंतलीं हांवें." तका पयण करुंक पसंद नां तरी कामा निमतीं महिन्याक दोन पावटी सपलयरांक मेळोंक आसता.

चिक्के बस... तो थोड्या वेळान येओवचो आसा, म्हणताना मोव सोफाचेर कुलो तेंकलो हांवें.

नताशाचो नोवरो आयिल्लोच दोन पेग्ग मारुंक मिनी बार ताणे उग्तें कर्ताना असल्यो बाटल्यो अबुधाबी डुटिफ्री-त्य नांत तसें भगलें म्हाका. रुचीक जेवाण जावन नमुन्यावर फळ वसतू मांडताना तांतल्यो दाको हांवें विंचल्यो.

तांकां आधेवस करून पाट कर्ताना दारार ड्रैवार उबो आसल्लो.

भायर आयिल्लोंच सिग्रेट झळवन दोन दम्म मारून सिग्रेटिचें मूळ मोच्यानीं चिर्डून भाराव्या माळ्येक चोयलें हांवें. तें उभार बांधाप म्हाका हेडायता कसें दिसलें. ड्रायवर मानान म्हळ्ळेबरीं बी एम डबळू काराचें बागील उग्तें करून राक्तालो.

म्हजी तीक्ष्ण दीषट नताशाक नियाळुंक लागली. तेंच सुंदर अनी आकर्शीत वदन... त्या नाजूक बोटा मधें खेळचें ऐ फेंन.... अंतराषट्रीय मट्टचें सुंदर घर... आनी हें काळश्या रंगाचें बी.एम.डबल्यू कार...!!

“म्हजे बरीं घाम काडन जोडल्ले पयशे न्हय हे... खंडीत पाड वाटानीं कमयिल्लें जावंक पुरो... नां तर.. इतलें पुरा कशें...? म्हाकाच समदान केलें हांवें...

काराच्या ए सी–ंत मिश्रीत वातावरण, दाको खावन आंबोट जाल्ले दांत आनी ह्या मधें हातांतलो चोकलेटा डब्बो.. परा... परा... आवाज कार्ताना, सेलीन टिचरीन सांगल्ल्या “आंबोट दाको” काण्येचो उगडास मात्र म्हाकाच हेडायता तसें भगोंक लागल्लें....!

*** – ***

(पयणारी, २०१७)

खंयसर धांवणी

'शलू.. शलू....' आवयचो ताळो भुर्ग्याक आपयतालो.

'शरोन... शरोन... खंय आसायगो तूं. हांगा ये. तुजा पाटिची कात काडतां आतां'

आवयचो बिगडोन येंवचो ताळो मुखल्या घराच भुर्ग्यांसंगीं मात्येंत खेळच्या शरोनाक आयकानासताना गेलोना.

धांवोन आयलें तें. पाप बावडें च्यार वर्सांचें भुर्गें. घर्ची सार्की जाण्वाय नातल्ली ताका. संसाराची कशी आसतेली.

छटार... छटार...

आयच्या दिसाचे पयले मार ते. सदांय मार खातालें तें. आतां ताका मार दुकानातल्ले. पूण एका थराची भिरांत हाडयताली.

"कितेंगो, मुकल्या घर्च्या भुर्ग्यांसंगीं खेळानाका ह्मण कितलें सांगलें हांवें. तूं आयकानांय. तुका मारच गत. त्या मातियेंत खेळोन खोरोज लागवन घेवंक."

"म्हाका मारिनाका मम्मी. आनी हांव थंय वचोन खेळाना."

तें रडतालें. ताचीं पिंत्रां भरल्ले दोन दोळे अपल्या आवयक चोयताले. कांतून आवयचें अस्पषट रूप दिसतालें.

"आयकगो, आतां हांव बजाराक वेतां. पाटीं येताना वेळ जावंक पुरो, खंय वचनाका, वडली मांय संगीं घराच राव. पर्त्यान तूं खेळोंक वचानाका" धेंकणो दिलो आवयन

"हूं:

हूं.. हूं

शरोनान रडोंक सुरू केलें, हांवें खेळच्यार कितें जाता? हावें कित्याक खेळुंक न्हजो? मम्मीन म्हाका मारल्यार तिका कितें मेळता? म्हाका मारल्यार कशें रडोंक येता?

नेणतीं चिंत्नां ताच्या मतीक वेडो घाल्तालीं. आतां तें निदचा कुडाचीं मेटां काडुंक लागलें. ताच्या पांयाचे किणकुळे आवाज कर्ताले. पांयांच्या पंदा तोपल्लो कांटो दुक्तालो.

मम्मीन म्हाका खंच्या दिसा मारुंक ना?

पर्त्यान पांयांच्या किणकुळ्यांचो आवाज जालो. तें पांयांचें सोभाण ताच्या अंकलान दिल्लें, ती मोगाची काणीक जावन.

हां! तो दीस! म्हजो जल्मा दीस!

ह्या दिसा म्हाका कितलो संतोस, त्या दीस केक कातरल्ली. आनी सकडांक हांवें खावयिल्ली. त्या दीस मास आनी पेंळी रांदल्ली. आमगेर सयरे आयिल्ले. सर्वांनी म्हाका कीस दिल्ले. काणिको दिल्ल्यो. म्हजे कडेन खेळच्यो वसतू आसल्यो, ते पुरा आतां पाड जाल्यात, आनी त्या दिसा म्हाका हे किणकुळे म्हज्या अंकलान दिल्ले. त्या दीस सर्वांनी "हेप्पी बर्थडे" म्हण सांगल्लें.

हां। तो दीस म्हाका सार्को उगडास आसा. त्या दिसा मम्मीन मारुंक ना. गाळी सोवुंक

नांत. शरोनाची मासूम भुग्र्याचीं चिन्नां तीं. हळू निदच्या कुडा थावन भायर आयलें तें. आतां ताचें रडणें रावल्लें. वडली मांय नीदल्ली. तान लागली ताका. उदाक पियेवंक रांदचा कुडाक गेलें तें. पांयां पंदलो कांटो तोप्तालो जाल्ल्यान पांय वोडन चल्तालें तें.

काल त्याच कुडांत मम्मी संगीं उलयतालीं, मम्मी काम कर्ताली, भोवशा काफी कर्ताली हें कालें मम्मी? तें कालें? ही म्हजीं सदांचीं सवालां जावनासलीं. ती साकर, हें गोड, तो चा पिटो. अशें ती सांग्ताली. खंयचेंय सार्कें उगडास ना, हें सर्व त्या काळकाचा कुडांत आसा म्हण हांव जाणा आसल्लीं.

थंय वचजय. कितें आसा पळेजाय, हळू तिळ्ळें हांवें. फकत काळोक. पाटीं वचोन वडलिमांयक पळेलें. ती नीदल्ली. ती मारिनातल्ली. पूण ती मम्मिकडेन सांग्ताली. आनी मम्मी मार्ताली.

त्या कुडा भितर वचाजय! हांव, थंय वेचें न्हय, त्या दीस थंय गेल्ल्याक माम्मीन म्हाका मारल्लें. तें सक्कड आपडिल्यार आज पर्त्यान मार्तेली.

भायर आयलीं हांव, पांयाचे किणकुळे आवाज कर्तले. वडली मांय जेमेताली. "मांय" आपयलें हांवें.

"साकर कित्याक चायेक भर्सुंची सांग पळेयां?" टिचेरिचें सवाल म्हजें.

"चा पिटो कोडहू आसल्ली चा गोड जावंक पुता. तर साकर गोड आसतागी?"

"व्हय पुता" जेमेवन जवाब दिली तिणे.

आतां हांव त्या काळकाकुडांत उभीं असल्लीं.

साक्रिचो डब्बो म्हज्या हताक मेळल्लो. आम्सोरान, आवाजाविणें, भोव चत्रायेन तांतली मूटभर साकर काडली हांवें. काळजाची उडी धडदडताली. कित्याक हें म्हजें पयल्या पावटिचें साहस जाल्लें. एक मूट तोंडांट भरली हांवें.

म्हाका च्यार वर्साची प्राय जाल्यारी पयलेपावटीं हांवें सकर खांवची जावनासल्ली.

संतोसच संतोस म्हाका! सुमधूर अनुभव!

म्हजे हात अनी तोंडार साकर चिडकल्ली. ती सकाळिंच्या सूऱ्याच्या किर्णाक मोतियांबरी पर्जळताली. एक मूट साकर घेवन धांवलीं हांव, मुखल्या घर्च्या अलेसागेर! तीं सदांच म्हजे संगीं खेळतालीं. तांचो अंकल तांकां चोकलेटां हाडन दितालो अनी तांतलीं थोडीं म्हाका हाडन दितालीं तीं.

आतां हांवें तांकां दीजाय!

घेवन मुकल्या घरा धांवलीं हांव. म्हजे पांयांचे किणकुळे आवाज कर्ताले सदांचेपरीं. पांयां पंदलो कांटो तोप्तालो. पूण दूक विस्राल्लीं.

पूण म्हाका अन्येक विचित्र! मुकल्या घर्च्या अलेसाक साकर खांवची उरबा नातल्ली. कित्याक ती तांकां सदांची जाल्ली. तांची आवय, भयणी, ताका सदांच दितालीं. अशें कशें हें? म्हजी तर्नी मत पर्त्यान चिंतुंक लागली.

तांच्या घर्चीं बरीं आनी म्हजी मम्मी पाड. तांकां सदांच खावंक दितात. अमगेर दीनांत. भोवशा मम्मी एकलीच खाता जायजय. तर म्हाका खंचें बरें जाता. म्हाका कितें जाय तें

मम्मी दीना. म्हाका जाय जाल्लें काडल्यार म्हाका मार्ता. विचारल्यारयी दीना अनी गाळी सोवता.

हें सर्व म्हाका कितें म्हण सुसतानातल्लें. पूण एक मात्र म्हाका समजाल्लें. मम्मी म्हाका बरें जांवचें दीन. त्या खातीर मम्मी नातल्ल्या तवळ हांवें तें काडन खावंक जाय."

म्हजे नेणते पांय गण.. गण.. आवाजासंगीं निदचा कुडाक चमकाले. हो एक दीस जावनासल्लो.

पूण अशेच दिसा उपरांत दीस उभले. कितल्यो राती उतरल्यो कितले दीस गेले. मयने संपले तें म्हाका कळीत नातल्लें. कित्याक म्हाका कळीत आसल्लें म्हाका जाय जाल्ल्या वसतूक मम्मिची अडकळ आसा म्हळ्ळें मात्र आनी तो एक दीस...

मम्मी खंय वचोनगी भायर सर्ताली. म्हजा मनांतच चिंतुंक लागलीं, आज कितें तरी करिजाय, कितें कर्चें.

शरोन... शरोन... मम्मीन म्हका आपयिल्लें.

"हांव मिसाक वेतां. खंय वचानाका.. घराच राव. त्या घरा मुकल्या गोव्या पाटल्या बांय कडेन वचनाका. मातियेंत खेळोंक वचनाका. मागीर म्हाका कळात तर तुका मार्तेलीं. वच भितर वच खाव्येर निदे."

हांव भितरल्या भितर संतोस पावलीं. म्हजीं चिंत्नां बळ जातेलीं.

घरा थावन मम्मी भायर सरोन पंद्रा मिनुटां उत्राल्लीं.

"घरालागिंच्या गोव्या पाटल्या बांय कडेन वचनाका" हांवें थंय गेल्यार कितें जाता? साकर काडची न्हय सांगल्यारी हांवें काडुंक नांगी? म्हाका ती बरी जावंक नांगी? ना, हांव थंय वेतेलीं. म्हजी वोडणी त्या बांयकडेन वेताली.

हांव धांवतालीं.... ती म्हजी धांवणी.

हां!.. कितेंगी म्हाका विचारुंक आसल्लें वडलिमांयकडेन.

मांय, बांयत कितें आसता?

'उदाक आसता पुता'

उदाक? हां उदाक थंड आसता न्हयगी? तांतून खेळोंक बरें जाता. मांय, उदकांत खेळ्ळ्यार कितें जाता?

ताप येता. शेळ जाता. सगळो दीस निदाजय पडता. आनी वोकात पियेजय पडता.

आतां म्हजो दुबाव परिहार जाल्लो. उदकांत केळचें, भोव संतोसाचें. मागीर ताप येंवचें तें कितें म्हण हांव नेणां पूण ताचे उपरांत निदचें. भारी बरें जाता. वकात!? हांव. त्या दीस मम्मीन म्हाका दिल्लें. तें गोड शरबताबरीं आसल्लें.

हांव धांवलीं.. म्हजे पांय धांवताले. आनी तांचेसंगीं हांवयी धांवतालीं. त्या बांयकडेन!

पांयाचे किणकुळे आवाज कर्ताले गण गण आवाज सदांचा भरिंच आयकातालो. पांयां पंदा तोपल्लो कांटो आज दुकानातल्लो, भोवशा दुक्तालो जायजय. संतोसान म्हाका

कळानातल्लें. अतां हांव बांय कडेन उभीं आसल्लीं.

"शरोन बांय कडेन वचानाका, हांव तुका मार्तेलीं". आवयचीं उत्रां आयकल्लीं प्रतिध्वनीत जातालीं. क्रमेण क्षीण जावन येतलो तो ताळो अनी अखरेक शून्य.

मतिच्या अन्येका कोनशाथावन उदेतालो अन्येक आवाज!

"शरोन... तूं उदकांत खेळ्ळांय? हांव कोणी नातल्ल्या वेळार आमचा उदकाच्या टांकिंत खेळतां. कितली मजा जाता म्हण तूं जाणायगी? उदकांत खेळोंक बरें जाता न्हयगी?" मुकल्या घराचा अलेसाचो ताळो बळ जावन येतालो. क्रमेण तीं उत्रां इतलीं खंचल्लीं की दुस्रो ताळो या आवाज लीपल्लो. म्हजी कूड उदकांत उडोंक अत्रेग्ताली. आवय घरा येवंक अनीकयी वेळ आसल्लो. मांय निदेंत आसल्ली.

म्हजी कूड बांय आनी धर्णी मधें मालवली.

हा! एका थराचो उल्लास!

धडाल्ल!

म्हजी कूड उदकांत लीपल्ली! थंड उदाक, हिंवाळ अनुभव! उदकाच्या मट्टा थावन हळतार सकयल आनी सकयल.

तशेंच थळा थावन वयर आनी वयर. ही धांवणी रावल्ली. म्हजो उस्वास रावल्लो. म्हका कितेंच अयकानातल्लें. संसार स्तब्ध जाल्लो या हांव. वयर थावन बोबाट आयकाताली. पूण म्हजे कान आयकानातल्ले. वयर थावन सर्वां तिळतालीं. म्हजे दोळे उग्ते आसल्ले पूण पळेवंक सकानातल्ले.

वातावरण तशेंच आसल्लें.

पूण म्हजो उस्वास रावल्लो.

हांव मरण पावल्लीं सासणाच्या सासणाक. म्हजो खेळ रावल्लो. चिंत्नां रावल्लीं. अनी संसारी धांवणी प्रारंभ जाल्ली. ती खंयचर!?

इगर्जेची घांट डांय.. डांय आवाज कर्ताली.

पूण!

धांवां.. धांवा.. म्हण सर्वांच्या कानांक आयकाताली.

सदांच मम्मी म्हाका रडयताली आनी आज खुद्द मम्मी रडताली.

पांयांक किणकुळे आसल्ले पूण आवाज रावल्लो.

पांयांक तोपल्लो कांटो अनीकयी कातिभितर आसलो.

पूण तो तोपानातल्लो..

नेणारपणाचें एक मासूम मुग्ध भुर्गें आज संसारा हुज्रीं नपंयच जाल्लें... तें केदिंच कोणायच्या दोळ्यां हुज्रीं आयलें ना.

*** – ***

चाबूक

रातिचीं वरां ०१.१२....

फा. प्रकाश एकाच्चाणे खटल्यार थावन उटोन बसलो. सदां निदच्या वेळा पर्माणे तो नीदल्लो तरी किंचीत निदेचीं ल क्षणा दिसोन आयलिंनांत. आयताराच्या मिसा पयलें सुशेगात विशेव तो आशेल्लो तरय एक मटवी निदेझळक लागशिल्यान पाशार जालिना.

चिंला उंचाबळ दऱ्याच्या ल्हारांपरीं एका पाटल्यान एक म्हळ्ळया बरीं आनी एका वर्नी एक बळाधीक जावन मतिच्या कोनश्याक आदाळताना ताचे थंय आसल्लें समाधान सुळियेक शिर्काल्लें.

याजाकपणाच्या पाटल्या दोन वर्सांच्या जिण्येंत आसें केदिंच भगोंक नातल्लें.

खटल्याच्या दाव्या कुशीक आसल्ल्या वणदी वयल्या आल्तारिचेर तांबड्या दिव्याचो मंद उज्वाड झळकातालो आनी ताचे पंदा उबी आसची क्रुसिफिक्स रगता वर्णांत प्रकासताली.

ताणे आंगावयलें टी शर्ट काडून, हांतुळणार उडवन, जनेल उग्तें करून भायर नदर मारली. हर्द्यार आसल्ल्या केसां मधें पुटोन म्हळ्ळयाबरीं येंवचे घामा थेंबे चांदन्या उज्वाडाक मोतियांपरीं पर्जळताले. गोमट्या वयल्या रुप्याळ्या चेयनीक उमकाळचो लोहाचो खुरीस त्या शीतल हव्यांत कुडीक थंडाय दिता तसें भास जालें ताका.

निसर्ग आनी मनीस...! अप्सेंच हळू उदगार ताच्या वोंटा मधे उदेलो. व्हय, मनीस निसर्गा खातीरगी या निसर्ग मनश्यां खातीर रचल्लो..? भायलें वातावरण कुडीक थंडाय दिता तर कित्याक बागलां जनेलां दांपून निदतांव?. हिंवाचे बचावे खातीर बागलां जनेलां दांपल्यार वयल्या पांको कित्याक घुंवता? पांको गर्ज आसा तर आपणाच्या आंगार दाट रतन कांबोळ कित्याक? रतन कांबळी भितर ऊब आशेंवच्या कूडीक घाम कित्याक सुटता?

मनश्याकूळ आज गुस्पडायेंत शिर्कालां..!!

खरेंच सांगचें तर मनीस निसर्गा थावन फळापळ घेता, मनीस आज प्रकृतेचो गुलाम जावन बदल्ला.!? तो एका तत्वशास्ऱ्या बरीं चिंतुंक लागल्लो. ओत्तडांत तो सांपाडल्ल्यान सिंतिमेंताळ जाल्लो.

"आंत्रळा वयलीं सुकणीं तीं वोंपिनांत या लुवानांत आनी तीं सुशेगात आसात. रचल्लो देव तांका पेंस्ता, फाल्यांची खंत तांका ना. तुमी तांचे वर्नी कितल्यागी वांव्यानी उंचले जावनासात. तसें तर खंत कित्या खातीर?" वांजेलांतलीं उत्रां आतां ताका कांतायलागलीं. उत्रां खरीं जावनासल्लीं.

सेमिनारिंतल्या पाटल्या धा वर्सानीं ताणे तत्वशासत्र, मनशासत्र आनी देवशासत्र तसल्या सभार विभागानीं आध्यायन ताणे केल्लें. मनीस आसकत, दीषट नां तर चस्मा गर्ज आनी पावसाक सत्री आनी विशेवाक मात्या वयर एक पाकें.!! "देवान रचताना मनश्याक सर्व रचणेच्याकी ऊंच जावन रचल्लो. तर आज मनीस कित्याक मनजातिच्याकी कीळ?... आसल्या सभार सवालांनी सकाळ उदेता पऱ्यांत धोसलें ताका. परत निदेन ताका बिल्कूल वेंगलेना.

व्हय, फा. प्रकाश आज आशांत जाल्लो!! हाका कारण आसल्लें.... याजकपण!!

एका ऊंच उद्धेशा खातीर ताणे हो भेस विंचल्लो. आनी ताच्या निर्धारा थंय सेमिनरिंतल्या त्या तरबेतिच्या धा वर्सांनी एकच्च एक पावटीं विचलीत तो जाल्लो ना. संसारीक जिणी आनी तसल्या वोडन्या थावन ताका संपूर्ण नियंत्रण आसल्लें.

देवाचें उतर पर्गटचें प्रामुख्य ध्येय तर दुबळ्या दाकव्यांची सेवा मिसांवाचो इरादो जावनासल्लो.

उंचले चिंताप आनी अखंड भर्वसो!!

पूण, हकीगत वेगळीच जावनासल्ली.!

समर्पीत जिण्येची वाट आज दुस्रेच्च दिशेन चमकाताली. सहायक विगार जावन पाटल्या दोन वर्सानीं ह्या पिर्गजेंत आयिल्ले थावन पिर्गजे इसकोलाच्या आडळतेदाराची जवाब्दारीय ताच्या मात्यार पडल्ली. पवित्र पुसतक आसाजाय जाल्ल्या हातांत लेखपाक पळेंवचे बूकानी ताका ग्रासिल्लो. ग्रेसत आनी मध्यम कुटमाचांकच्च साध्य जावनासच्या इंगलीश माध्यम इसकोलाची जवाब्दारी ताचेर थापल्ली. आध्यात्मीक शिकपान व्यवहारीक वाट धरल्ली.!! एक उद्योगीक मनीस जावन ताका पर्तिल्लो.!!

दुबळ्या दाकव्यांची सेवा कर्ची आशेची आंक्री फुटोन किरलोन येताना एका अदृश्य सक्तेन मुळा थावन खिंमचून उडयिल्ली. दफ्तराच्या च्यार वणदी मधें आसल्लें मेज आनी कदेल सोडल्यार जनेला भायर आसच्या त्या सिमेत्रिंतले सरल्ल्याचें फेंडच ताचे सांगाती जावनासल्ले.! आनी तांच्या मात्या थळार पूरल्ल्या विवीध रंगाळ आनी वेवेगळ्या आक्रतिंच्या सिमेटिच्या तशेंच रुकाडाच्या खुर्सा मधें आपणाचो खुरीस खंचो म्हण सोदना कर्चेंच ताच्या विशमाचो एक वांटो जावनासल्लो.!!

“हें काम तुमचें न्हय फादर, तुमी आमचें काम केल्यार आमी कसलें काम कर्चें?” पाटल्या दिसानीं बिकोम शिकोन काम नासताना बेकार आसल्ल्या एका युवजणान खुशालायेन सांगल्ली उत्रां हीं.

उत्रां खुशाली तरी ताचे पाटल्यान कोडू सत आसल्लें. एका व्यकीक काम मेळल्लें तर एका कुटमाची भूक थांबती आसल्ली कोण्णा.!

आज आयताराचो दीस वरां सकाळिचीं ३.३५. हप्त्याच्या दिसांनी सदां अर्ध्या वरांची मिसां भेटंवचीं, आयताराचें दुस्रें मीस आनी ताच्या पाटल्यान भुर्ग्यांक दोतोर्न, इतलें सोडल्यार ऊरल्ल्यो इसकोलाच्यो राटावळ्यो. आयची सकाळिचीं तयराय आजून बाकी आसल्ली.

आर्स्या मुखार उबो जाल्ल्या ताका मुखामळार खाड दिसलेना तरी नीद नातल्ले वर्वीं पुरासाण उटोन दिसताली.! हांव आल्तार भुर्गो आसताना, त्या काळाच्या पाद्रिंक मुखमळार एका थराचो दैवीक पर्जळ दिसतालो. आनी आतां तर्न्या प्रायेरच रगता वोत्तड आनी गोड मूत म्हण विवीध थरांची अस्वसतकाय इनाम जावन लाभल्लें नवी भांदपां उभार्च्या धांवणेचो प्रतिफळ जावन.!

विगारान पयलें मीस प्रारंभ केल्लें. फा. प्रकाश कोयारिसतां मधें पियानोर बोटा चरायतालो. आतां विगार वांजेल वाचून शिकवण दितालो.

“देवाळांत व्यापार”..

व्हय देवाळांत व्यापार कर्तेल्यांचेर जेजू रागार जाल्लो. पवित्र जाग्याची धेस्वाट कर्तेल्यांक बूद शिकवंक ताणे कमर बांदल्लें.

"आनभावडत्यानो म्हज्या बापाचें घर तुमी व्यापाराचें केंद्र केलां" ताच्या कठीण उत्रांक फूड करुंक कोणच्च रावलोना.....

विगार बापांचो शेर्मांव बोव गंभीर जावनासल्लो. दूसऱ्या मिसाच्या शेर्मांवाची फा. प्रकाशानय बरी तयाराय केल्ली. कित्याक हें सत ताच्या जिण्येक आनी चिंत्पाक ताळ पडतालें. हो विचार ताच्या व्यक्तित्वाचेर गंभीर परिणाम घालुंक पावल्लो. ह्याच्च कारणांच्या नियाळांत आदल्या रातीं तो निदोंक सकलोना. आज तो काळजा थावन उलवंक आत्रेगलो.!!

नालिसाय!!

नालिसायेंत बुडोन आसांव आमी आनी संसाराक हासोन फटयतांव.

आदल्या आयतारा होलाच्या भांदपाविशीं चलल्ल्या तर्कांत एका तर्नाट्याच्या चिंत्पा पाटलें राजांव ताका सार्कें दिसलें.

"कोरोडानीं खर्चून उभें केल्ल्या इगर्जे बांदपानीं गोर्वांच्या गोठ्यांत जल्माल्ल्या जेजूक सोदतातगी तुमी?. बांदपा–इसकोलां–होलां आनी कांपलेक्सां होच्च आमचो शवटगी? असेंच मुखार वचत तर आनी थोड्या वर्सानीं 'बार एंड रेसटोरेंट' संस्थ्याचो वांटो जांवचे दीस चड पयस नांत, अनी हांव हें तमासो कर्न नां". तर्नाट्याचीं उत्रां तीक्ष्ण आसल्ली तरी सत जावनासल्लीं.! इगर्जेच्या कांपलेक्सांतल्या शांती–सागर बार आनी रेसटोरेंटा विशीं कोणेय उल्लेख करुंक नातल्लो.

"देवाळांत व्यापार"..!!

आसें जावंक सोडचोना हांव, फा. प्रकाश गर्जालो. हां सर्व बदलून सोडतलों. ताणे निचेव केल्लो!! एक जागरण हाडुंक आसल्लें. एक क्रांतिकारी उदेल्लो..!! कोणे तरी मेट मुखार दवरुंक जाय आसल्लें. आनी आज फा. प्रकाशान एक्सूऱ्यान झूज मांडची येवजण केल्ली. सार्की त्याच्च परीं, जेजून उटायिल्ल्या आवाजा परीं.!!

कोयारिसतां गायान गायतालीं. कोयारिसतां पाटल्यान वणदीर दोन चाबुकां उमकाळचीं गमनाक ताच्या गेलीं.

खंच्या काराणा खातीर चाबुकां हांगासर उमकाळतालीं म्हळ्ळें सवाल ताका कांतयतालें तरी आयच्या दिसा ताची गर्ज दिसोन आयली. त्या चाबुकांची मूट ताणे आरायली, एका थराचो उध्वेग आनी आवेश ताचे थंय भर्ताना ताका वेगळोच्च अनुभव जालो.

ती भांग्राळ्या झरी संगी रायापरीं पर्जळची मुसनायकी! मात्या वयल्या पाक्यार झिळमिळचे मोलाधीक दिवे! मटवी वुसतुरां, आंग भर्न भांगार आनी दाट देगेचीं कापडां, कुमगारा वेळार आवज उटंवचे दाट हिलाच्यो वाणो, रंग रंगाळ वोंटा मधें पवित्र एवकरिसत !!

फेशनांच्या रंग मंचाक बदलाल्लें देवाळ... इसकोला खातीर डोनेशना, होल बांदच्या खातीर मनवी पत्रां आनी विदेशाक भेटो!! मारबल फात्रार चडीत दीवन हेरांचाकी पयलें नांव कांतांवचो भरम!! फिर्गज फेसतांक उबारल्लीं तीं स्टोलां, आनी मिसा वेळार बोबाटचीं लावड स्पीकरां !!. एका वर्नी एक फा. प्रकाशाच्या मती पड्यार उदेवन गूंड प्रभाव घालुंक

लागलीं.

फा. प्रकाशान चाबूक बळान वोडचें प्रयत्न केलें. दोन चाबुकां मधल्या आर्द्या वर्तुलांत आसें बरवन आसल्लें" हांव तुमकां शिक्ष्या लावंक येवंक ना, बगार आयलां सुटका दीवंक"

चाबूक आतां फा. प्रकाशाच्या हातांत आसल्लें. कोणा थावन प्रारंभ कर्चें? विगाराकगी जो इसकोलाचे पयशे आनी इसकोलाचें लेख म्हजे कर्ना करयता? कोणाक मार्चें? कसल्या कामनिंय हात दिनासतां फारिजेवा परीं सवालां घालून वेळ विभाडच्या पिर्गज सलहा मंडळिच्या सांद्यांकगी? कोणाचेर जुलूम चलंवचो? पुबलिकानां बरीं मुखल्या बांकानीं बसोन दिंबियानी पडोन फटकिरो वेस पांगुर्च्या आनी इगर्जे भायर गेल्लेंच पेंज्ड्यो गाळी येटच्या जम्याकगी? पवित्र येवकरिसता वेळार फेंर्टिकोंत रावोन बिडी–सिग्रेट वोडच्या दादल्यांकगी? या क्रिस्मस आनी पासका मिसा वेळार पादऱ्याबाच्या घरा पाटल्यान एकामेकाच्या वेंगेंत सूख सोदच्या यूव जोडियांकगी?

कोणाक आनी कोणाक पयलें..? या अपणाकच्च?

आपणाकच्च? सवाल या जवाब? एक ताळो गुंडाय थावन बोबाट मार्तालो.

हांव कोण जावनासां? हांव जेजूक समानगी? लोकाक बूद शिकवंक हांव योग्यगी?

जेजूक ताणी खुर्सार मारल्लो! ताणीं ताचेसंगी जेवल्ल्यानीं, ताचे संगी रावल्ल्यानीं, ताची शिकवण आयकाल्ल्यानीं, ताचीं आजापां देखल्ल्यानीं. तर हां खुर्साच्या मर्णाक तयार आसांगी?

"खुर्साया ताका खुर्साया"....

कांट्याचो मुकूट, जेरबांदाचे मार, थिंपी आनी निंदा...

"खुर्साया ताका खुर्साया"...

व्हडा आवाजासंगी लोका जमो दांडे, दिवटोणी आनी फातर घेवून आपणाक दांवडावन हाडतात तसें भगलें फा. प्रकाशाक.

तुंयी तांचे मधलो एकलो न्हयगी? पेद्रूक घाल्लें सवाल ताचेर उडायिल्लेपरीं भगलें ताका.

"खुर्साया ताका खुर्साया".... कितलो आवाज बळ जावन येतालोगी तो तितलोच्च आसकत जावन येतालो.

ना हांवें सोम्याक समान जावंक साध्य ना! भराधीक खुर्साचें मरण म्हजेवर्वी खंडीत साध्य नां! भितरलो उजो पालवोन अयिल्लो.

विगारान कुमगार वांटून जाल्लो फा. प्रकाशाविणे.

फा. प्रकाश दूसऱ्या मिसाचे तयारायेक आयतो जालो तिच्च झिळमिळची मुसतायकी, त्याच पर्जळीत दिव्या पंदां...!!? तिच्च शिकवण, तिंच उत्रां आनी नव्या भांदपाविशीं पयश्यां खातीर लोकाक कळवणी...!!!

*** – ***

(पयणारी, २०१८)

सिद्दांतां

०८:४७

हेरिटेज रेसिडेन्सिच्या तीसऱ्या माळियेर, लिफ्टाथावन भायर येताना, रायनान आपल्या वोचाचेर नदर मारली. नम्यारल्ल्य वेळापरास पयलेंच पावल्लो तो.

रूम नंबर ३०३ रेसटोरेंटाच्या केबिनाबरीं सजयिल्लें. उरूट मेजाभंवतीं स कदेलां मांडल्लीं तर, एका कोनश्याक आसल्लो एल सी डी पर्दो मीटिंग रुमाक जेवणासालांत बदलिल्ल्याची गवाय दितालो.

कोनश्याक आसच्या मिनिबाराच्या पाक्याथावन जळचो मंद दिवो. पेंदा आसल्ल्या विदेशी सोऱ्यां बाटल्यां वयर पर्जळतालो. त्या सोभायेमुखार सुताऱ्यान नाजूक थरान कांतयिल्लें रुकाडाचें काम आपलो प्रभाव होगडायलांशें दिसतालें.

रायन बसका घेवन, ग्लासांत भरल्ल्या नितळ उदकाक घोट मार्न, फेंनाचेर बोटां चरवंक लागलो. डोकटर नरेशान ताका नोव वरांचो वेळ दिल्लो.

रायन मथायस!!

पाटल्या पंद्रावर्सांनीं हें नांव पांवड्या पांवड्यार वळकिचें जाल्लें. ल्हान श्हेरांत, लगबग डजनाभर बांदपां ताचेववीं उबीं जाल्लीं. मदल्या वर्गाच्या लोकाच्या हाताक पांवच्या मोलाक तो फ्ल्याटां तो विक्तालो. क्रिसतांवांक एक पात्येणेचो बांदपी म्हण फामाद जाल्लो. दिल्ल्या पयश्यांक पुर्ते मोल म्हण लोक समजाल्लो.

एका उत्रान सांगचें तर, रियल एसटेट वेव्हारांत, 'ड्रीम्स कनस्ट्रक्षन्स' हाचें नांव उंचायेक पावल्लें.

डोकटर नरेश भितर रिगलो.

तूर्त मिटिंग म्हळ्ळेपरीं, फकत एका दिसाच्या ल्हान आवदेभितर डोकटर नरेशान ताका आपवणें धाडल्लें.

डोकटर नरेशाच्या दिश्टिंत हें एक मिटिंगापरास एका थराच्या सोल्ल्याची तयाराय.

डोकटर नरेश!!

ह्या नांवाक ह्या श्हेरांत वळकानातल्लो कोणयी नातल्लो.

नांवाडदीक 'न्युरो सर्जन' म्हणजे मेंद्वाचें ओपरेशन कर्च्यांत ताचे तितलो चतूर कोणयी ह्या श्हेरांत नातल्लो. ताचेहातीं जायनातल्ली केस आनी कोणाथावनयी जायनां म्हळ्ळें सर्वांक कळीत आसल्लें. मदल्या प्रायेचो तरी ताच्या अनभोग आनी जाण्वायेन सबार पिडेसतांक मर्णाच्या दावलेथावन बचावी ताणें दिल्ली. ताचें वेक्तित्व विशिषट. तर्न्या दाक्तेरांक तो एक डायनामीक हीरो. न्यूरो सर्जरिंत सनद जोडच्या दाक्तेरांक तांचेबरीं नांवाडदीक जांवची आशा. ताची वयक्तीत जिणी खंच्याय सीनिमीय पात्राचें चिरण तशें भग्तालें. ओपरेशन कर्ता म्हण सर्वां सांग्तालीं. सिग्रेटिची घाण, ताच्या लागशिल्यान पाशार जाताना नाकाक आदाळताली. ओपरेशन थियेटरांत कुटका या पान खातासताना, थुकच्याक आयदान धरुंक नर्सां या शिकच्या दाक्तेरांक नम्यार्तलो म्हण खबर आसल्ली. ताच्या घरा वचोन पयस्यांची

थयली दीनासतां, ओपरेशनाक आयकना म्हणोन ताचेर दुरां आसल्लीं.

हें सर्व ताच्या जाण्वाय या यशस्वेथंय बोट जोकिनातल्लें. तसलें अथवेंच वेक्तित्व तांचें!

रायन आनी नरेश!!

विदेशी विसकेचे बर्फान भरल्ले ग्लास, संसारीक उलवण्याण मुखारून गेले. दुस्रे पावटिंच्या ग्लासार गंभीर उलवणें सुरू कर्चे मधें मोबायल फेंनांनी अडकळ हाडल्ली.

मानेसत!!

श्हेराचे दोग मानेसत एका सोल्ल्या खातीर मेजाभंवचीं जमल्ले. तांचेमधें गूंड इश्टागत नातल्ली तरी एकामेकाक ते दोगी भिल्कूल अपरिचीत न्हय. लयन्स क्लब्बाच्या पार्टेवेळीं ते सभार पावटीं मेळल्ले.

तिस्रो पेग तयार जाल्लो!

संसारांत जांवच्या चडताव मीटिंगांक सोऱ्यान बर्पूर रंग हाडल्लो! हऱ्येका तर्कापाटल्यान, वेवेगळ्यो अभिपरायो आनी अखरेक एका ताळ्यान येंवच्या निर्धारांत विसकेचो पात्र महत्वाचो, सबार सोल्ले जाल्ले.

"आमीं आतां गर्जेचें उलव्यां" डोकटर नरेशान आपलो मोबायल स्वीच ओफ कर्चेसंगीं रायनाचेर एक मटवी दीश्ट घाली आनी हिशारो समजल्ल्या रायनान आपलेंपण बंध कर्न पयस दवरलो.

"श्हेरांत 'संजीविनी मल्टी स्पेश्यालिटी होस्पिटल' हाची येवजण तयार जाल्ली ती तूं बऱ्यान जाणांय. त्या होस्पिटलाविशीं चडीत तुका समजांवची गर्ज आसचिनां. कित्याक म्हळ्यार हाचेविशीं हऱ्येका थरान तूं जाणां आसल्ल्यांत सबार सिवील कनस्ट्रक्षन पंपेन्यां पयकी तुज्या कंपेनीन आसक्त दाकयिल्ली हाका साक्स." दाक्तेरान व्हड एक घोट मारून मुखारिलें.

"ही आस्पत्र ह्या श्हेरांत सर्व आस्पत्रें प्रास चडीत पिडेसतांक सेवा दिंवची मात न्हय आसतां अत्त्याधुनीक सवलत्यांनी भरल्ली आसतली. तेगां भागिदारां मधें हांव एकलो आनी दोग भागिदार विदेशी जाल्यान आनी तशेंच ते वयजाकीय शेतांतले न्हय जाल्ल्यान, बांदपाच्या पांवड्याथावन आडळतें चलंवच्या पऱ्यांत सर्व जवाभदारी म्हजीच"

"मटव्यान सांगचें तर हें कोंटऱ्याकट तुका मेळचेबरीं अक्रचें म्हज्या हातांत आसा. हाचो मतलब हो न्हय की तुवें सर्वांपरास उणें कोटेशन दिलांय या ऊरल्ल्यां प्रास तूं ऊंच म्हण भिल्कूल न्हय."

दाक्तेर आपलो चस्मा एका बोटान पाटीं लोटून एका घडियेक रायनाक पळेवंक लागलो.

"तशें तर आमच्या कंपेनीक विंच्यांत कितें मतलब म्हण जाणां जाव्येतगी?' रायनान इरादो समजोंचें प्रेतन केलें.

"थोडीं बांदपां तुवें उबारल्यांय. तूं ह्याच श्हेराचो आनी वळकेभितरलो. इतल्या व्हड प्रोजेक्टाचें काम तुवें हातीं धरल्यार तुका ह्या श्हेरांत मात न्हय, लागशिल्या श्हेरांनी नांव

येतलें. तुका हाचेपरास उंचल्या पांवड्याक पावंवची श्याथी म्हाका आसा. एकामेकाच्यो गर्जो तूं समजोंक सक्ताय" दाक्तेरान सिग्रेट जळयली.

रायनाच्या वेव्हारीक चिंत्पाक दाक्तेर बदलेक कितेंगी आशेता तें खचीत जाल्लें. "म्हजे थावन कितें आशेताय?" कपलार मिनिरो घालन विचारलें ताणें.

"ह्या प्रोजेक्टांत तुका पांच कोरोडांचो मुनाफें आसा. ताचे १०% म्हणजे पन्नास लाख, कमिशना लेकार" दाख्तेरान नीट प्रसताप मुकार दवरलो.

"डोकटर नरेश.. तूं बऱ्यान जाणांय. आमची कंपनी कोंटऱ्याकट वांकड्या वाटांनी आपणावंक वचाना. आमी दिल्ल्या कोटेशनांत उंचल्या कालेतिच्या साहेतिचें फावोतें मोल दाखयलां. आनी तुवें सांगचेतितलो मुनाफें खंडीत ना"

डोकटर नरेश झड लायतानांच फळ लुवोंक पळेतालो.

"रायन वेव्हारीक चिंत्पाचो म्हण हांवें लेखल्लें" गुत्काची पेकेट ताळ्यांत देंवयताना, डोकटर नरेश, एका वयजापरास, आंगडिंतल्या बनियापरीं दिसोंक लागलो.

"वेव्हार म्हजो प्रामाणीक. म्हाका म्हजिंच म्हळ्ळीं सिद्धांतां आसात. आनी ह्या वर्वी ह्या शहेराक उंचल्या मट्टाचीं घरां आनी रावळेरां आमी दीवंक सकल्यांव."

"रावळेरां मनश्यांच्या वसतेखातीर. हांगासर तूं आस्पत्र बांधताय. आनी आस्पत्रेंत कोणंच रावोंक आशेना. फरक तूं पार्कुंक सकलोनांय" दाक्तेर राजांव उलयतालो.

एका नांवाडदीक दाक्तेराचें चिंताप रायनाचो निर्धार दंडळावंक सकलेंना.

ताका सोल्लो मंजूर नातल्लो!!

ताचे थंय ताचेंच वेक्तित्व आसल्लें तें नास करुंक नाका आसल्लें.

"चडीत मुनाफया खातीर ओपरेशनावेळार तुमीं वापाच्र्यो साहेती या मनश्यांच्या कुडिंभितर दवच्र्यो नकली भात तुमीं कीळ मट्टाच्योच वापार्तातगी म्हण दुबाव भग्ता म्हाका " रायनाच्या चवत्या पेग्गाथावन चिंतिनासतानांच सवाल उटयिल्लें.

"तूं आमच्या दैवीक कामाचेर बोट जोक्ताय"

"तुजो निर्धार अखरेचोगी? चिंतून पळे" दाक्तेराचो फोन सायलेंट मोडार आसल्यारयी तीन मिस्ड कोल्स दाकयतालें.

"म्हज्या सिद्धांतांथावन हांव मेकळो जांवचोनां" रायनान खचीत केल्लें.

"तूं आनी तुजीं सिद्धांतां. तुंच दवर, वाटो सबार आसात" नरेशान फोन उबारलो. "भोवश्या आस्पत्रे थावन जावंक पुरो"

एका कोनश्याक चमकोन ताणें विवर घेंवचो पळेवन रायनाकयी घरा वचोंक तडव जाल्लो.

डोकटर नरेशान जांव, प्राय, खंयचर आनी केदाळा म्हळ्ळो विवर घेवन जाताना, रायनाकयी घराथावन फेंनां येवंक सुरू जाल्लीं. पूण ताणें चिंतल्लेपरीं बायलेचें फोन न्हय.

रीमा!!

ताची भयण. फटाफट कोल कर्न आसल्लें.

फोन कानाक दवर्न, बागलाभायर होटेलाच्या कोरोडोरांत पासायो मारिलागलो.

रीमा कावजेल्लें. ताच्या उत्रां मधें रडण्याचो आवाज चडीत आसल्लो.

“समीर अवघडांत गंभीर थरान घायेवन, अथेन्स होटेलाच्या तूर्त विभागांत आसा. ताचें बायक लोरियेक आपटोन मात्याक गंभीर मार जाला. कोमांत आसल्ल्या ताच्या बोल्सांतल्या फ़ेंनाथावन पेंलिसांनी म्हाका खबर दिल्ली. कशें पुणी कर्न ताका वांचय. ताचेवीण हांव जियेवंक सकचिंना” रीमाचें रडणें विशेस आसल्लें.

एक लांव श्वास सेवलो ताणें

कपलार उदेल्ल्या मिरियांक बोटांनी खोर्पिलें.

समीर!!

रीनाचो क्लासमेट जावन ईश्ट जाल्लो.

ईश्ट क्रमेण बोयफ्रेंड जावन बदलाल्लो.

सळावळ घरा भेट दिंवची मात न्हय आसतां, बायकार भंवचे पऱ्यांत पावल्ली.

सिवील इंजिनियरिंगांत सनद जोडल्ल्या तक्षण रीनान ताका कंपेनिंत घेवंक ओत्ताय केल्ली. रीनाच्या खुशेक खाल जावन मात न्हय आसतां समीराच्या आकर्शीक वेक्तित्वांत, उंचलो फुडार दिसोन येतालो.

अशें जाल्ल्यान रायनान ताका “प्रोजेक्ट ईनचार्ज” जावन नमियारल्लो.

रायनाचें लेख हांगासर चूकल्लें.

दिसानदीस चडत वेच्या वेळ रातीं पऱ्यांतल्या पार्व्यांवर्वी ताचें गुमान जवाभदारेथावन पयस वरुंक पावल्लें. हाचेपयलेंय तीन पावटीं तो रसत्या आवघडांत सांपडल्लो तरी मतीक उज्वाड येवंक नातल्लो.

तीन च्यार पावटीं होटेलांनी पियेंवण्याच्या आमालार गलाटो कर्न मार खावंक पडल्ले.

एक पावटीं पेंलिसांचो सयरो जाल्लो!

आमालार गाडी चलवन एका भुग्र्याचो पांय मोडल्ल्यान कोडतिंत केज चल्ताली.

कंपनिच्या लेखांत गडबड दिसोन येताली.

सिमेंट सपलायराथावन कमिशन घेवन कंपेनिचो मुनाफें फार्तालो मात न्हय आसतां नांव पाड कर्तालो.

तितलेंच न्हय आसतां, आयलेवारच प्रतिस्पर्धी संपेनेसवेंय हात मेळोवन आसा म्हण रायनाक कळोन आयिल्लें.

ह्या सर्व संग्तेविशीं रायनान ताका चत्राय दिल्ली. ताचे उपरांतयी समीराक रायनाच्या दोळ्यांक दोळे मेळंवच्यांत कितेंच अडकळ भगानातली.

रीमा ताच्या जिण्येंत गुंडायेक रोंबल्लें.

रीमा म्हळ्ळें ट्रंप कार्ड आपणासवें आसता पऱ्यांत रायन अपणाचें कितेंच बिगडोंक

सकचोना म्हण ताणें आपल्या वर्तुलांत गाजंवचें रायनाच्या कानाक पडल्लें.

समीर रयनाच्या जिण्येंत गिळुंक या थुकुंक जायनातल्ली उंडी जावन बदलाल्लो.

असल्या परिगतेंत ताच्या एकाच मोगाच्या भयणीन समीराच्या जिवच्या बचावेखातीर बोब मारल्ली!

संदिगद परिगतेंत तो शिर्काल्लो!!

डोकटर नरेश तुर्तान वेच्या तयारायेर आसल्लो.

"बरें तर रायन. हांगासर आमीं चडीत वेळ विभाडन कितेंच फायदो ना. म्हाका एमरजेन्सिंत एक पेशंट आसा. रसत्या आवघडाची केज. हांवें घळाय करुंक जायना. वेळ भोव मोलाधीक." म्हणात डोकटर नरेश बागला तेवशीं सरारां मेटां काडुंक लागलो.

"पेशंटाचें नांव समीरगी? थोड्या सेकुंदाचें मौन!

"प्राय २९ वर्सां?" एक लांब श्वास!

"मोटर बायक आवघड आनी कोमांत!?"

रायनाचीं तीन सवालां आयकोन डोकटर नरेशाक विज्मीत जांवचें बराबर आतुरय वाडली.

'हूं' व्हय म्हणच्याबरीं दाक्तेरांनी तकली हालयताना, रायनाच्या कपलाथावन देमवोन येंवची बारीक घामाझर दाक्तेराच्या गुमानाक येनासतां रावलिनां.

"कितल्या घडीस आसा? जिवाक कसलोय बादक?" रायनाचो ताळो गदगदीत जाल्लो.

"रायन. मेंद्वाक मार *(Brain injury and internal bleeding)* आनी आंतरीक रसग्तास्राव. खंडीत जावन भोव मारेकार. रग्तास्राव आपलेसतकीं रावल्यार बरें आसा. पूण हें गेटे जाल्लें रगत मेंद्वाच्या शिरांक लुक्साण कर्ता जाल्ल्यान, हो वेक्ती कोमाथावन भायर येनासतां आसचो संभव आसा. कितले दीस, हाफ्ते या मयने सांगोंक जांशेंना. आनी एकावेळार कोमाथावन भायर आयल्यारय खंचे तरी ऊण खंडीत आसतले"

"ऊण..? *(Disability)!?* रायनाचीं उत्रां कातर्न दाक्तेरान मुखारिलें.

"शेळिपिडा *(Paralysis)*, मतिची असकत्काय, असें सांगचें तर सबार आसात"

"डोकटर नरेश, समीर म्हजो खास मनीस. हामव ताचो सांभाळनार म्हण तुवें चिंत्येत, ताची चिकित्सा म्हजी उंचली जवाभदारी." रायनान हात उदारे केले.

"तशें तर ओपरेशनाची गर्ज पडल्यार पयश्यांविशीं फिकीर कर्ची हांगासर गर्ज आसची ना"

एका घडियेक रायनाच्या मतिंत सबार पिंतुरां दांवोंक लागलीं.

रीमासंगीं एक असहायक मांद्रेक शेवटाल्लो तर्नाटो.

असहायक! निसतेज वेजिटेबल!!

रायन हाका तयार नातल्लो!!!

"ओपरेशन?" रयन घुस्पडल्लें जाळ सोडयतालो.

"पिडेसतान वांचोन उर्चो आवकास उणो. संपूर्ण थरान पाटीं पर्तुंची साध्यता आसा. असले पिडेसत चड जावन ओपरेशन थियेटराथावन भायर येनांत जाल्ल्यान, पिडेसतांच्या वारेसदारांक चडीत रिसक. पूण दात्तेरांची रिसक उणें" दात्तेराच्या उत्रांनी मनशापण उणें दिसतालें तरयी राजांव आसल्लें.

रीमा आनी समीर!!

पयशिल्या पयस पऱ्यांत सार्कें दिसानातल्लें!!

"डोकटर नरेश. हांगासर पिडेसतान ओपरेशन थियेटराथावन जिवंत पर्तोंक न्हजो. टेबलारच.. तुजें फावोतें मोल हांव फारीक कर्तलों." रायनान निचेव केल्लो.

सिद्धांत! सिद्धांत!!

"देवा उपरांतलो जागो आमकां दितात. आमी जीव वांचावंक दाख्तेर जातांव. सनद जोडल्ले वेळार आमी सपेंत घेतांव. निश्कपटपणांत आमी पिडेसतांची सेवा कर्चेपासत. ह्या संसारांत अजून दात्तेरांक उंचलो मान आसा. हजार हजार जीव मर्णाच्या दांवलेंथावन चोर्न आमी पाटीं हाडल्यात. तूं कितें आमकां कसायगार म्हण चिंताय?" डोकटर नरेशाचो आवाज चडोन येंवचो रायनाच्या गुमानाक आयलो.

"सोल्लो! सोल्लो!! तुज्या नव्या आस्पत्रेच्या बांदपाचें काम हांव हातीं घेतलों, आनी तुवें घाल्ल्या हर शर्तीक हांव वोप्तां"

डोकटर नरेशान रायनाचो हात हालयलो.

रायनाच्या तोंडार मंद हासो आसल्ल्यो.

*** – ***

(पयणारी, २०१८)

प्रोफेसी

सांजेची वोरां चार जावन तीन मिनुटां जाल्लीं. नवीनान आपल्या मोटार बैकाचें स्टॅंड वोडन चावी बोटां मधें खेळायित्त मुकल्या बांदपाचेर नदर मारली. 'शांती विहार' बोर्डींग ऍंड लाडजिंग!

तो पर्नो तगडाचो बोर्ड अजून बदलोंक नातल्लो. नारायण शासत्रीन चार वोरार ताका भेटेचो वेळ दिल्लो. नवीन चौधुरी!!

आसपासच्या गावांत परिचीत नांव जावनासल्लें. भूव्यवहारांत ताणे आपलिच्च प्रगती केल्ली. हंता हंतानीं ताणे जयतची शिडी चडचें प्रयत्न केल्लें. ह्या थोड्या वर्सानीं सबारांक वसते जागे या घरां घेवंक ताणे कारण जाल्लें मात्र नहीं आसतां सबारांची आसत फावोत्या मोलाक विकुंकयी ताचो हात आसल्लो. पेपरानीं ताका इसतिहारां घालंवची गर्ज नातल्ली.

पात्येणेचो तर्नाटो म्हण ताका सबारां थावन होगळीक मेळल्ली. सुर्विल्या दिसानीं एक 'एजेंट' या 'दलाली' थावन प्रारंभ जाल्लें पयण रियल एसटेट बीसनेस म्यान जावन बदलाल्लें. घरां बांधून दिंवचीं कोंट्रेकट तो घेतालो.

नवीनान सिग्रेट जळवन 'शांती विहार'च्या शिडियेचीं मेटां चडालागलो. मेटां धुळिंत बुडोन गेल्लीं. थंय थंय शिंपडाल्लो कागदाचो कचरो आनी पान बिडा खावन थुकून घाल्ल्यो वळदी पळेताना चाळीस वर्सां पनऱ्या बांदपाची चरित्रा पाचार्तली.

'नारायण शासत्री!!'

तांबड्या अक्षरानीं तगडाच्या बोर्डार बरवन वणदिचेर खिळायिल्लें. 'केरळांत तरबेत जाल्लो. ज्योतिषय शासत्रांत राज्य मट्टार प्रख्यात, तुमच्या समस्यांक मूळ परिहार! आजच्च भेट दिया!

बोर्डार बरयिल्लें वाचून नवीनान सिग्रेटिचें मूळ वरांडाच्या वणदीक चिर्डून धर्णीर उडयलें.

बगला भितर रिग्तानां दुस्रीं ग्राहकां आसचें नवीनाच्या गमनाक गेलें. एक स्त्री आनी तिचे संगीं सात या आट वर्साचें भुर्गें बसवन संभाषणांत मेतेर जाल्लीं.

शासत्रीन चस्मा पाटल्या दोळ्यानिंच नवीनाक स्वागत केलो आनी वरांडाचेर दवरल्ल्या बांकाचेर बसवंक ताका हिशारो केलो.

स्त्री गिरायकाचें वेगीं मुगदोंचार नातल्लें नवीनाच्या गमनाक वचानासताना रावलें नां. वेळ पाशार जाल्लाबरिंच नवीनाच्या काळजांत एका थराची आतुराय तशेंच आन्येका वाटेन उद्वेग भरोन येताले. एका थराची कावजेणी ताच्या भितर भग्ताली जाल्ल्यान रातीं ताका सार्की नीद पडोंक कषटाताली. ह्याच्च कारणां निमतीं ताका आज शासत्रीच्या बगलार उबो केल्लो चार जावन २३ मिनुटां जाल्लीं....

वेळ पाशार जायनातल्लो. वरांडार रावोन नवीनान भंवती एक नदर मारली.

तेंच पर्नें बांदाप! तोच्च रसतो! पाटल्या आट वर्सांनी हांगासर कितेंच बदलावण जावंक नातल्लें. शासत्रीन आपलो बोर्ड पऱ्यांत बदलुंक नातल्लो.

फकत्त रसत्यार वाहनां वाडल्लीं.

नवीनाचीं चिंलां पिंतुराबरीं आट वर्सांक पाटीं धावोंक लागलीं.

शासत्रिची पयली भेट जाताना तो संपूर्ण निरास्पणार आसल्लो. बी.काम. शिकाप ताका आसल्लें तरी फावो तें काम ताका मेळवंक नातल्लें. शिकाप संपवन व्हडा आशेन तो बेंगळूर गेलो. तशेंच उपरांत बोंबय. कितलें प्रयत्न केल्यारी ताका ताच्या शिकपाक पुर्तें काम ताका मेळानातल्लें. ह-येक मेटा मेटाक ताका तोंद्रे मुखार येताले. काम मेळ्ळें म्हणतासताना हातांतलें चुकोन वेतालें. एक पावटीं ब-या कंपेनिंत भर्ती जावंक आपवणें आयिल्ल्या वेळार ताका मलेरिया तापान एका महिन्याक निदायिल्लो. असल्ल्या घडितांनी ताका निरास केल्लो.

विवीध धार्मीक जाग्यांक ताणें भेट दिल्ली. सबार जाग्यानीं ताणें आंगवण केल्ली. पयस पयस म्हणासर ताका उज्वाड दिसलो नां. काळोकांत तो सास्पातालो.

असल्या परिस्थितेंत तो आसतानां एका इषटान शासत्री विशीं सांगल्लें. ताच्या इषटाच्या सलहा पर्माणें शासत्री एक आशा कीर्णां बरीं भगोंक लागल्लें.

नवीनाची परिस्थिती समजल्ल्या शासत्रीन ताची जल्मा कुंडली हाडयिल्ली. जल्माल्लो जागो, वेळ आनी दिवस तशेंच जागो समजोन घेतल्ल्या शासत्रीक नवीनाच्या कुंडलिंत गडबड दिसोन आयिल्ली. सार्की जल्माल्ली वेळ घडी निघंट केल्ल्या शासत्रीन भव सूक्ष्मयेन नवी जल्मा कुंडली रचल्ली.

''तुजीं नेकेत्रां परिशीलन कर्न पळेल्ल्या लेखार तुवें कोणाच्यायी हाता सकयला कामा कर्चें योग बरवन नां''. शासत्रिचीं उत्रां एका थराचीं कठीण म्हण भगल्लें नवीनाक ताची प्रश्नार्थक दीषट शासत्री वयर थावन हालवंक नां. दीर्घ श्वासा संगीं शासत्रीन मुंदरिलें. ''तुजा पंचागा प्रकार धर्तेक संबंध जाल्ले संग्तिनीं तुका बरेपण आसतेलें. फ्लेटानीं वसते बदलाक धर्णीर घर भुंयक संबंध जाल्लो व्यवहार! रियल एसटेट इत्यादिनीं तुका बरो भविषय आसा. प्रयत्न कर. म्हजें हें उतार सत जायना तर हांव हें ज्योतिषय शासत्र सोडतां. तितली पात्येणी म्हाका आसा आनी हें खरें जाल्ल्या दिसा तूं म्हजे सर्शीं येतलोय आनी ह्या प्रोफेसिचें फावोतें फारीक कर्तलोय. तवळ प-यांत हांव तुजे थावन कितेंच 'फीस' अपेक्षुंचो नां''. शासत्रिचीं उत्रां दृढ जावनासल्ली.

आनी मुखल्या वर्सानीं शासत्रिचीं उत्रां खरीं जाल्लीं. सुर्विले दीस तितले सलिसायेचे नातल्ले तरी शासत्रिच्या आदेशा पर्माणे नवीनान भू व्यवहारांत पांया दवरल्ले.

रियल एसटेटांत जायती बदलावण जाल्लो वेळ तो जाल्ल्यान साक-या वेळार नवीन स्पध-याक देंवल्लो. अशें 'ब्रोकर' म्हण बुन्याद गाल्ली तरी थोड्याच्च वर्सानीं 'रियल्टर' म्हळ्ळया मानाक फावो जाल्लो.

व्यावहारीक चिंत्पांत देणें आसल्ल्यांत ताचो भर्पूर फायदो उटयनासताना रावलो ना.

शहरांनी ताचे नांवीं जागे आनी आसत उदेवंक प्रारंभ जालें. अयिल्लो मुनाफो ताणें आडंबरानीं खर्चिनासताना फावोत्या रितीर विनियोग केलो.

जिण्येचें समतोलन चुकयनासतां तो मुखार सरलो. यूव उद्यमी तो जाल्लो!!

शासत्रिचीं उत्रां सत जाल्लीं आनी भसयिल्ल्या पर्माणें फावो तें इनामा दीवंक तो विसारलो नां.

एकामेका थंय भांदसो रुता जाल्लो. तांचे मधें व्यवहारी संबंधयी प्रारंभ जाल्लो.

शासत्रिच्या गिरायकी पयकी कोणाकयी घर जाग्याक संबंध गर्जांक तो नवीना तेवर्शी धाडतालो. तर नवीनाच्या गिरायकांक वासतुविशीं या नाना थरांच्या दोष या ताका परिहाराची गर्ज आसल्यार शासत्रिचें बागील बरवंक माहेत दितालो.

शासत्री आनी स्त्रीयेचें संभाषण अजून मुगदोंक नातल्लें. नवीनान सिग्रेट जळवन एक भळाधीक धर्म मारलो.

मती पडद्यार आदलीं घडितां जिवाळ जावन येतालीं.... तीन वर्सां आदली गजाल ती जावनासल्ली...

शासत्रिची चन्नायेचें गण्णें करिनातल्ल्यांत तो घरां जाल्लो. शासत्रीन घरां जावंकयी कारण आसल्लें. ताचें उतार आयकातल्लो. तर सर्व संकषटा थावन बचाव जाता आसल्लों". नवीनाक आपलेसतकीं चुर्चुरे भोगले.

पयशांच्या अडचणी आसल्ल्या एका मानेसताना मासळे मार्केटिलागीं आसल्लें आपलें पर्ने घर विकुंक नवीना कडेन आयिल्लो. पाकें निस्राल्लें खंच्याय कामांक येनातल्लो. घरांत नवीनान भर्पूर मुनाप्याचो पर्मळ पळेलो. मासळेची घाण येता तरी रसत्याच्या पोंतार आसच्या घर्च्या दोन कुशीन रसतो मेळतालो जाल्ल्यान कांपलेक्स बांधुंक सांगल्लें म्हण नवीनाच्या चुरूक मतीक सुसताल्लें. जाग्याचीं दसतावेजां सार्कीं नातल्लीं तरी वळकिच्या आनी पयशांच्या बळान सार्कीं करवन कांपलेक्साक बुन्याद गाल्ली. खबार कळल्ल्या शासत्रीन नवीनाच्या 'प्रोजेकटा'चेर चन्नाय जागायली. त्या जाग्यांत 'बर्कात नां' म्हण ताका शीदा उत्रानीं जागायिल्लें.

पूण त्या वेळार नवीन मुखार पावोन जाल्लो. म्हजे कडेन विचारल्लेंय तर हांव तुका बिल्कूल मुखार सरोंक सोडतोनां. इतलो जाण्वायेचो उद्यमी जावन जाग्या विशीं कितेंच खबार काडिनासताना मुकार सरल्लें पळेताना म्हाका भोव अज्याप भोग्ता" म्हण शासत्रीन शीण उचारल्लो. नवीन आतां खात्रिंत शिर्काल्लो!!

जाल्ल्या तितल्या वेग्गीं बांधाप तयार कर्चें. अंगडी जाल्ल्यान आंगार पडोन लोक घेवंक तयार आसल्लो. वेगिंच विकून आपले हात धुंवचें" म्हण नवीनान लेखाचार घाल्लो.

आयिन्न वेळार...

बांदपाचें थावन कुशिचें बांधाप कोसळोन पडल्लें. एक कामेली पंदा पडोन आस्पत्रेच्या वाटेर मरण पावल्लो. हांगासर नवीनाचें लेख वयर सकयल जाल्लें.

कामेल्याच्या मर्णा वर्वीं व्हड मार पडल्लो!!

एका हफ्त्या म्हणासर पोलीस स्टेशन आनी कोर्टाच्या बागल्यार खर्चुंक पडलें.

दिसाळ्या पेपरानीं ताचें नांव उदेवन येवंक सुरू जालें. स्थळीय टी.वी. चानेलांनी बेपार्वा विशीं सराग निंदा केली. जिल्लाडळितांत कामेल्यांच्या *Safety* आनी परिहारा विशीं चर्चा जाली.

अनावश्यक अवमान्याद जाली. उदका बरीं दुडू खर्चुंक पडलो. कोर्टांत केस उबी जाली.

पन्वती पडल्ल्या जाग्याना आपलो रंग दाखयिल्लो. अपशकुनां थावन निस्रावंक चिंतल्ले हात आतां मोडल्ले. अखरेक शासत्रीन फावो तो परिहार सोधता पऱ्यांत ताका बचावी नातल्ली!!

"पयलेंच शासत्री थावन सलहा घेतल्ली तर ही गत येताना मुखार असली चूक कर्चो नां" म्हण ताणें खरो निचेव मतिंत धरल्लो. बरें लिसांव मेळल्लें!!

आतां बरो काळ पतऱ्यान उदेवन आयिल्लो!

संकषटाची घडी पाशार जावून जिणियेच्या अन्येका मेटा पांया दवर्चो वेळ आयिल्लो.

काजारी जिवीत!! लग्नाची तयाराया!!

ह्याच्च विशीं आज शासत्री संगीं महत्वाची भेट तयार केल्ली. सूक्त चलियेचो पंचांग आनी फावो ती घडी काजारी जिवितांत महत्वाचो पात्र घेतात म्हण तो बऱ्यान समजाल्लो ऊरल्ल्या सर्व थराची अऱ्हता ताचे थंय आसल्ली. जाय पुर्तो दुडू. आकर्शीक व्यक्तित्व. शिकाप आनी हातांत जाय पुर्तें काम. जाय पुर्ते सैरिको ताका तयार आसल्ले. काजारा विशीं एका थराचें धैऱ्य सहज जावनासल्लें. ताका सबार कारणां आसल्लीं!!

ताच्या एकाच्च भयणिचें लग्ना जिविताचें तारूं दऱ्याच्या कठोर ल्हारां मधें शिर्कोन धिक्क चुकोन गेल्ले बरीं जाल्लें. घरांत राग, झगडें आनी असमाधानां वर्वीं बरोन विच्छेदनाच्या वाटेर आसल्लें.

एका ताच्या खास इषटाची बायल आन्येकल्या पाटल्यान धांवोन गेल्ली. इषट ताचो देदेस्पार जावन बेद्देपणाक वेंगल्लो.

सेजारा एका घरांत वर्सा पयलें काजार जाल्ली जोडी बायल्यान पळेवंक सुखी दिसताली. अचानाक एका दिसा स्त्रीयेन घर्च्या पाक्याक कापाड बांधून गळपास घेतल्लो!! ताळ पडानातल्ले जोडी? एकामेकाक मेळानातल्लो जल्मा कुंदली या पंचांगां? पाड वेळ घडी?

नवीना थंय सवालांची रासच्च आसल्ली!!

वोरां सांजेचीं ०४:४३ जावन येतालीं.

शासत्रिची गिरायकीण स्त्रीयेचें कामा संपवन तिणें बगला थावन भायरा सरली. आतां नवीनाची सर्ती जावनासल्ली.

"ये बस. वेळ जाल्ल्याक माफी मागतां" शासत्रीन नवीनाक आपल्या मुखली बसका दाखयली.

"पर्वा नां गुरूजी. तुमचें आशीर्वाद आसता पऱ्यांत" म्हण ताणें पायां अपडले. नवीनाक शासत्री थंय विशेष रितिचो गौरव आसल्लो.

थोडो वेळ तांचे मधें हगूरायेचें संभाषण चल्लें. हांतून व्यवहाराचें उलवणें येनासतानां रावलें नां. मासळे मार्केची लागिंचें बांदाप कोसाळल्ले विशीं आनी कामेली मरण पावोन जाल्ल्या नषटा विशीं उल्लेख जायनासताना रावलो ना. तशेंच शासत्रीन दिल्या चेतावणेविशीं बडाय उलयनासताना रावलो नां. नवीनाच्या हातांत आसल्ल्या चार जातकां हातांत घेतलें. तशेंच नवीनाचो जातका अन्येका हातांत घेवून विमर्सो करुंक लागलो.

हाचे मधें थोड्या घडियेचें मौन वातावरण थंयसर उबें जालें.

चस्मा पाटले शासत्रिचे दोळे गूंडायेंत बुडोन गेल्लें. शासत्रिच्या कपालार उदेल्ल्या मिरियां मधें लिपोन आसल्लो. मिसतेर नवीन पार्कुंक प्रयत्न कर्तलो.

तेलांत भीजल्ले शासत्रिचे केस नाजूकायेन पाटीं उगयिल्ले काळसा केसां मधें उटवन दिसच्या धव्या केसांचेर नवीनाची दीषट वचानासताना रावली नां. जोतिषय शासत्रांतलो गूंड अनभोग शासत्रिच्या व्यक्तित्वांत उटोन दिसतालो.

धार्मीक फोटसां मुळीं निरंतर जळवन आसच्या अगरबत्ती पर्मळ सगळ्या भोंवती पासारल्लो.

चार जातकां पयकी दोन विंचून हे दोन तुका ताळ पडतात. दसेंबराची तेरा तारीक आनी सकाळिंचीं ११:५३ वोरां मुहूर्ताक वेळ जावनासा. वेळ आनीकयी लागीं लागीं स महिने बाकी आसात. मंद हास्या संगीं शासत्रीन श्वास सेंवलो.

शासत्रीन नवीनाक आपलो उज्वो हात मुखार हाडन तळात उग्तें करुंक फर्मायलें. तळतार आसच्या रेखांचेर आपले हात चरवन "भविषय तुजें उज्वल जावनासा. लग्ना उपरांत घरा प्रवेश जांवची चली धनलक्ष्मी जावंक पावताली. मुखल्या पांच या स वर्सां भितर आतां आसचाकी पांच वाटानीं तुजो उद्दार जातलो. उन्नां म्हजीं बरवन दवर" शासत्रीच्या उत्रांनी अखंड भर्वसो आसल्लो.

शासत्रीन नवीनाच्या दाव्या हाताचीं बोटां मोडचिलीं. आता नवीनान आपल्या हाताची मूट भांदल्ल्या बरीं आसल्लें. मुटिच्या कोनशार उदेल्ल्या रेखां थावन शासत्रीन प्रोफेसी मुंदरिली "थोड्याच्च वर्सानीं तूं दोगां भूगऱ्यांचो बाप जातलोय. पयलें भुर्गें चेडूं आनी दुस्रें जावनासतेलें चेर्कों भुर्गों".

हांगासर आतुरायेची गजाल आसा: शासत्रीन एक दीर्घ श्वास सेंवलो.

एक चली तुज्या जिण्येंत मिसतेर तशें येतालीं. दुस्रें काजार या काजारा भायलो संबंध तें खचीत रुपार सांगोंक सकाना तरी इतलें हांव सांगोंक सक्तां की तिका तूं लांब काळा थावन वळकाताय. बहुशा भूगऱ्यापणाची सांगातीण या इसकोलांत सांगातां शिक्तानाची वळक!" शासत्रिच्या तोंडार मंद हासो आसल्लो.

नवीनाच्या मती पडद्यार आशाचें पिंतूर खेळवंक लागलें. कालेजिच्या वेळार क्लासमेट जावनासल्लें. काजार जावन एका भूगऱ्याची आवय जाल्लें. ह्या दिसांनी सराग *WhatsApp* मेसेज धाडतालें. थोड्या पावटीं थोड्या अर्थाचे जोक्स!

आतां आमी तुज्या भलायके विशीं समजोव्यां. लांब आवक तुका ग्यारंटी. नात्रांक उसक्यार खेळंवचें भाग आजकाल. थोड्यांकच्च फावो. भलायके भरीत जिणी तुजी. ७५ वर्सां थावन ८० पऱ्यांत खंती विणें जियेतालोय आनीं आयच्या दिसाक ७५-८० प्राय मळ्ळयार कांय ल्हान नहीं" म्हण हळू शासत्री आपल्या जाग्यार थावन उटोन काबाटा सशीं चमकालो. हें तुका गर्जेचें जावनासा. संसाराच्या नांवाडदीक बरवप्यांनीं आपली जाणवाय ह्या बूकांनी पर्गट केला.

तीन बूक ताणें मेजार दवरले.

'नेकेत्रां आनी तुजें भविषय' दोनशीं रुपया मोलाचो तांब्या रंगाचो. 'न्युमोरोलोजी-एक निगूड सत' पाचव्या रंगाचो बूक अडेशीं रुपया मोलाचो.

'वासतू आनी शिल्पी' हळदुव्या रंगाचो तिनशीं रुपया मोलाचो!! 'अपणाक हाची गर्ज आसा. वेरी इंटरेसटिंग' मती भितर गुणगुणलो नवीन आनीं एका हजाराचो नोट शासत्रिच्या हातांत गळयलो चिल्लर पाटीं घेवंक तो रावलो नां.

7605

रोनी मोंतेरो, कटपाडी

शास्त्रीक चडीत दिंवच्यांत नवीनाक कितेंच त्रास भगानातल्ले. शास्त्रीक वंदन कर्न खुशेन नवीनान शिडियेचीं मेटां देंवली. सांजेचो वेळ जाल्ल्यान रसत्यार गड्डी चडोनच्च येताली. नवीना थंय आतां एका थराचो उल्लास भरल्लो. सिग्रेट वोडची आशा जागी जाताना आपलो हात अपापीं बोल्याक गेलो. बोल्यांतली खाली पेकेट चिर्डून रसत्यार उडयली. रसत्याच्या अन्येका कुशीन गुडा आंगडी तेवशीं ताचीं मेटां चमकालीं. पावसा हळतार शेणेतालो.

धड... क्रीं.... क्रीं....

इतलोच्च अवाजा नवीनाच्या कानांक पडल्लो. तितल्या भितर वेगान येंवच्या एक्सप्रेस बस्सान ताच्या आंगार चडवन जाल्लें. ड्रैवरान बळान मारल्ल्या ब्रेकिचो अवाज सोडल्यार ताका कितेंच आयतालें नां. रसत्याक अपटाल्ल्या ताच्या मात्या थावन शीतल झर देंवोन ताच्या आंगा तेवशीं भिजवन पाचार्ता तशें अनुभव ताका भगलो...

भंवती ताच्या लोकाचो जमो ताच्या निसतेज जावन येंवच्या दोळ्यां मुकार अस्पषट जावन दिसतालें.

बोल्सांतलें चार जल्मा कुंडली उबोन वचोन रसत्यार वाळच्या रगता मधें बर्सोंच्या बरीं ताका भोगलें.

हातांतले बूक चेल्ला पिल्ली जावन शिंपडाल्ले...

अवाज इतलो बळाधीक जावनासल्लोगी लागशिल्ल्या बिलडिंगा थावन लोक भायरा तिळुंक लागलो.

थोड्याच्च सेकुंदानीं नवीन स्थब्द जाल्लो.

नवीनाचो उस्वास रावल्लो! अत्मो उबोन गेल्लो.

आवाज आयकोन पयल्या माळियेर आसच्यो नारायण शास्त्री उडोन पडलो. लोकांचो गुसू गुसू अवाज ताच्या कानांक पडानासताना गेलो नां. लोका जम्या मधें एका तर्नाट्याची कूड रसत्या पडल्ली शास्त्रीन पळेलें. तशेंच रसत्यार शिंवडाल्ले एका तांबडो एक पाचवो आनी एक हळदुव्या रंगाचे बूक ताच्या दिषटीक पडनासताना रावलोनां.

रगताच्या खतांनीं भर्सालीं चार कागदा कुडके शास्त्रीच्या दोळ्यांक कोंकुंक लागलीं.

नवीनान दिल्लो एका हाजाराचो नोट अजून ताच्या मुटी भितर आसल्लो.

तितल्यार अन्येक तर्नाटो ताच्या बागलार रावल्लो.... तर्नाल्या गिरायकाक पळेवन शास्त्रीन रसत्यार पडोन आसल्ल्या नवीनाच्या निर्जीव कूडी वयली आनी अनाथ जावन शिंपडाल्ल्या बुका वयर खंचायिल्ली दीषट काडली.

मंद हास्यान शास्त्रीन नव्या गिरायकाक स्वागत केलो. तशेंच हातांत आसल्लो एका हाजाराचो नोट आपल्या कंडऱ्यांत देंवयलो.

*** – ***

निचेव

पाटल्या पांच मिनुटां थावन आयिल्ल्या वाटस्याप संदेशाक पळेवनच आसल्ल्या रोहनान असहयकातेंत जनेलांतल्यान आपली दीषट भायर चोयली.

निशा!!

आपल्या एकल्याच्च धुवेच्या पयल्या कुमगाराचो दीस नम्यारून जाल्लो. आदल्या वर्साक जावंक जाय आसल्लो तरी एका वर्साक पाटीं पडल्लो.

रोहनाक रजा मेळानासताना रावल्लेंच एक कारण जावनासल्लें. एक वरस पाशार जावन गेलें तरी कितेंच बदलावण जावंक नातल्लें. रोहनाचीं सर्व प्रयत्नां निर्फळ जाल्लीं. चिक्केशें मुखार म्हणोन तीन पावटीं विगारा कडेन तारीक मुकार लोटून फायदो जावंक नातल्लो.

इगर्ज मातेच्या कायद्या प्रकार चडीत गळाय करुंक साध्यच्च नां म्हणोन विगारांनी स्पषट कर्न सांगल्लें. निशाचो पयलो कुमगार बापय रोहनाच्या हाज्रेंत या ताचे विणें हें एक सवाल जावन उरलें तरी विगाराच्या निर्धारांत कितेंच बदलावण जांवचो आवकास नातल्लो.

"एकादा वेळार तुका येवंक साध्यच्च नां तर आनीं हांवें तुजेविणें पयलो कुमगार सेवंक जायिच्च जाल्यार कसल्याच्च संभ्रम. गद्दाळायेक कितेंच अर्थ आसचोनां. कसलेंच आचरण कर्चें नाका. कोणेंच येंवची गर्ज नां" नेणत्या निशान खडक्क संदेश धाडल्लो. संदेश कठीण आसल्यारी तांतलीं सिंतिमेंता भर्पूर झळकातालीं.

निशाच्या उत्रां पाटल्यान आपल्या बायलेचो जिनोस उटोन दिसतालो. बहुशा ताणें निशाक आपलें अखरेचें हातेर जावन उपयोगसिला तशें रोहनाक भोगानासताना रावलें नां. हाचे पयलें बायलेन चड. उणें आसलेच्च संदेश धाडन निर्फळ जाल्लें.

"कार्मीक या कामेली वर्गाचे पऱ्यांत असल्ल्या संधर्भानीं अवकास करून हाजार जातात. एंजिनियर खंय. खंच्या कासताचो एंजिनियर? आपलें हक्क विचारुंक पऱ्यांत धयर नातल्लो असलो भिंवकुरो म्हज्या जिण्येंत हांवें पळेवंक नां" म्हण बायलेन फोनार शीण उलयिल्लो.

अशें रोहन असहायक जाल्लो.

असल्या परिस्थितेंत ताका समजोंक कोणच्च नासताना तो एक्सुरो जाल्लो.

बायलेन पऱ्यांत कितेंच भिंयेनासताना 'भिंवकुरो' म्हळ्ळो बिल्लो ताका चिडकायिल्लो.

दुबायाच्या फ्री जोन *(Free Zone)* जबेल आली पोर्ट भितर एकऱ्यां गटल्यान विसतारून आसच्या मेकडोर्मेट कंपेनिच्या दफ्तारांत पयल्या माळ्येर बसोन आसल्ल्या रोहनाच्या दोळ्या खांचिनीं दुःखां देंवोन येतालीं.

धर्णू वयल्या धुळिंत वर्तुलां रचून थोड्याच्च क्षणानीं जिरोन कितेंच मोल नां म्हळ्ळें बरीं मायाग जातालीं गलफाचें पयशे!!

ह्या थोड्याच्च पयश्यांनी कुटमा जिविताची बली विचारल्ली!!

घम आनी रग्ता मिश्रीत म्होंव तो!!

ह्या पयशांनी व्हडा साक्रिफिसाचो सोल्लो रचल्लो. खात्रिंत शिर्काल्ली परिस्थिती जाल्ली.

खंच्याय कारणां खातीर रवी चौधुरी रजा दीवंक तयार नातल्लो. दया भिर्मत तो नेणा आसल्लो.

रवी चौधुरी!!

Project head जावनासल्लो. कंपेनिच्या यार्डांत उंचलो अधिकारी तो.

नातालां फेसता वेळार रजा विचारल्ल्याक ताणीं नाकारल्लें. पास्खां फेसता वेळार विचारल्ल्याक कठीण ताकीद दिल्ली. लिखीत 'वार्निंग लेटर' दितलों म्हण धमकी दिल्ली. हर्‍येक दर्वाटो बंध जाल्लो.

एक अखरेचें प्रयत्न!!!

नेणत्या निशा खातीर परिणाम बऱ्यान जाणा आसोनयी रोहनान चौधुरिच्या केबिना तेवशीं भिंवकुरीं मेटां काडलीं. केबिनाचें बागील उग्तें करुंक उबारल्लो हात अपशेंच सकयला आयलो.

"लेखा वर्तें खर्चिताय. क्रेडीट कार्डाचें बिल्ल कोण तुजो बापाय दितागी?" चौधुरी फोनार बोबाडतालो. कार्ड बोर्डाच्या वणदी भायर अवाज लिपोन उरोंक सकलो नां. फोन स्पीकरांत आसल्लो जाल्ल्यान तेवशिल्ल्यान थावन स्त्रीयेचो आवाज सोडन दीनातल्लो.

"म्हज्या बापायचें नांव काडची गर्ज नां. फटीं मारून दोत घेवन काजार जाताना तुजे कडेन कितें सर्व आसल्लें म्हण तोंड सोडन सांगची गर्ज गी? भावाच्या काजारा खातीर इल्लेशें शोपिंग आनी तीन टिकेट्यां खातीर खर्चिल्या पयशांचें लेख विचार्तायगी?

"कोणा कडेन विचार्न टिकेट बूक केलिया? तुका कशें कळीत म्हाका येवंक जातालें म्हणोन" रविचो ताळो मात्सो तगसालो तरी राग उटोन दिसतालो.

"अनुपकारी तूं. म्हज्या भावान आमच्या काजारा वेळार रजा गालून एका महिन्याची कठीण वांवट आज तूं विसरलाय. तुजो सर्व नाटक म्हाका कळीत आसा" म्हण बळान फोनाचो रिसीवर सकयला दवरल्लो अवाज जालो. विषय भोव गंभीर आसा म्हण पार्कुंक रोहनाक चडीत वेळ गेलो नां.

पूण चिंतिनासताना म्हळ्ळें बरीं रोहन दफ्तरा भितर पावोन जाल्लो. अनुचीत वेळ म्हणोन समजोंक ताका तडव जाल्लो. भिजूडल्ल्या केसांक पाटीं लोटून हिशाऱ्या विणें भितर रीगल्ल्या रोहनाक प्रश्नार्थक दिषटीन म्हळ्ळेंबरीं चौधुरिचे दोळे तुलन कर्ताले.

"सर... एका हफ्त्या खातीर रजा मेळ्ळ्यार..." चौधुरिचो जिनोस पळेवन राहुलाचीं उत्रां अधऱ्यारच्च रावलीं.

"रावया" म्हळ्ळयाबरीं हातांत हिशारो केल्ल्या चौधुरिच्या चस्मा पाटल्या दोळ्यांचो क्रोध भुकेल्ल्या वागा समकार संपडाल्ल्या बोकऱ्याबरीं रोहनाक भास जालें.

"you will be fired". हें तुजें बेजवाब्दारेचें वर्तन काम होगडायशें कर्तेलें. जाल्ले तितलें तुर्तान भायर निकाळ आनी म्हज्या मुखल्या निर्धाराक राकोन राव. बहुशा तुका

लांब काळाच्या रजेची गर्ज आसा" आपल्या पतिणे वयर दाखवंक जायनातल्लो राग ताणें रोहनाचेर काडल्लो.

"सोरी... सर..." उलवंक अस्पद नातल्ल्यांतः रोहनान चौधुरिच्या घर्जोवणीन रोहनाच्या पायां मुळांतली भुंय हालयिल्लो. चुकिचें भोगसाणे विचारुंक पऱ्यांत अवकास मेळ्ळो नां. दफ्तराचें दार उगडन भायर मेटां काडताना चौधुरीन सेक्रेटरीक उलो मारुंक कांपीण वाजायिल्ली. आपल्या जाग्याक पावल्ल्या रोहनाचे दोळे दुःखानीं भरोन आयले. एका क्षुल्लक कारणा खातीर काम होगडांवच्या स्थितेर तो आसल्लो.

रोहनाचेर घड्येन घडी चिडच्या चौधुरिच्या घासाक तो संप्पाल्लो. एका मुग्ध शेळियेच्या बलिदानाचो वेळ लागीं सरल्लो. कठीण मुखेली मुखामुखीं एक सादो कामेली! चौधुरिच्या धारूण वर्तनांक कारणां आसल्लीं. काजारी जिविताचें तारूं वादाळांत संपडाल्लें. वेगळाचार दर्वत्यार उबो जाल्लो. पतिणेक जायतो समजोंवचें प्रयत्न कर्न तो निराशी जाल्लो. एकाच्च भूगऱ्याक आपल्या ताबेंत घेंवचें खातीर एकामेकानीं झूज मांडल्लें. उचांबळ दऱ्यांत शिर्काल्ल्या कुटमा तर्वाक तडीर पाववंक केल्ल्या हऱ्येका प्रयत्नांत ताका सलवणीं दिसोन येताली.

ओत्तडांत शिर्काल्लो तो. परिणाम संगीं काम कर्तेल्यांक भोगोंक पडतालें.

असल्या सन्निवेशानीं एका वर्सा भितर जवाब्दारेच्या हुद्द्यार आसल्ल्या तेगानीं काम होगडायिल्लें. थोड्यांक निकळायिल्लें आनी हेर सोडन वचोंक जाय पडल्लें.

वाष बेसिनाच्या असऱ्या मुखार उबो जावन रोहनान आपलें मुखमळ चोयलें.

रोहन मतायस!!

सलवणेचें प्रतिरूप. ताकाच्च कांठळ्ळो तो.

कसलें व्यक्तित्व हें!?

गंभीर मुखमळ खडपा सार्कें! निसतेज आकरषण नातल्ले दोळे.

तेलांत बुडवन एका देगेक वोंदावन उगयिल्ले केस! वोंठां मधें भायर येवून तिळचो तो मुखलो दांत. चौधुरिच्या एका देंक्याक उडोन पडचो शिर्पुटो जीव. एंजिनियर पूण काम कोंट्रेकटाचें!!

एकाच्च उत्रान सांगचें तर रोहनाचें असतित्व धर्णीक शेवटाल्लें. कसलो तपावत हो!?

"*Be quick 's smart?*" म्हणोन फुंक्याक सलहा दिताले. कंपेनिचे इंजिनियर फकत्त व्हड व्हड बूक आनी फायलां घेवन हेवशीन तेवशीन वेळ पाशार कर्ताले. रोहना परस तिदोडो वांटो सांबाळ घेताले. हेरांक ल्हाना दाखवन आपणाकच्च '*smart*' कर्न घेताले. फटकिरें व्यक्तित्व रुता करून हुड्डी आपणायिल्ले. चौधुरी मौन आसल्लो तांचे थंय आनी.... समासम शिकाप आसल्लो रोहन 'कोंट्रेकट' म्हळ्ळो बिल्लो घेवन दणसोणेंक ओळग जाल्लो.

सर्व काम ताका करुंक पडतालें...

चौधुरिच्या वांट्याचें काम पऱ्यांत करुंक पडतालें. कंप्यूटरांत बरिच्च माहेत आसल्लें पार्किल्ल्या चौधुरीन '*Powerpoint - presentation*' पऱ्यांत रोहना कर्नां करवन मिटिंगांत

अपूण नांव जोडतालो.

काम जाणां आसल्ल्यांक सांबाळ उणें! कसलें वीपऱ्यास!? घर्च्या बांदपाचें काम क्रास्वाच्या चालिच्या वेगान चल्तालें... काम सोडल्यार दूसऱ्या कामाचो भर्वसो नातल्लो.

रोहनाचो आत्म विश्वास संपूर्ण नास जालल्लो.

वेळ स्थब्द जाल्ले बरीं भास जातालें.

घड्याळाच्या कांट्याचो आवाज एक सोडल्यार देगेच्या टीरोमांत आसल्ल्या *JCE Maker* थावन भर्पाचे कुडके सकयल पडचें आवाज ताच्या कानांक निरंतरी धोसतालो. कितें कर्चें म्हणोन सुसतानासताना मूट भर भर्पाचे कुडके ताणे हातांत आरायले.

चिंत्पाची सकत उणीं जावन येताली.

क्रमेण धंडाय सोसची सकत उणें जावन येंवचें ताका कळीत आसल्लें तरी सोसणिकायेची मीत पार्कुंक आशेलो तो. आनी अशें एका हंतार–

भरफ संपूर्ण कर्गोन उदाक जाल्लें

हात ताचो भर्पाच्या तितलोच्च धंड जाल्लो.

ह्या वेळां दोन संग्ती ताच्या गमनाक गेल्यो.

पयलें जावन व्हडा दुकेन आसताना ल्हान मट्टाची दूख कांय परिणाम घाली नातल्लो. दुस्रें जावन एका हंता उपरांत भरप धंड करुंक सकानातल्लें. *'Saturation Point!!'* वोरां साडे तीन जावन आयिल्लीं...

आज साकाळीं थावन चौधुरीन एकच्च एक पावटीं तरी ताका आपवंक नातल्लें.

हर्शीं उदाक पियेवंक पऱ्यांत पुर्सत नातल्ल्या ताका कितेंच काम दीवंक नातल्लें.

चौधुरिची कामां थावन निकळांवची धमकी नीज जावन येवंक चडीत वेळ उरोंक नातल्लो.

चौधुरीन अपयलां म्हणोन सेक्रेटरीन अवाज दिल्लो....

क्याबिनाचें दार कांपेऱ्या हातानीं उग्तें केलें....

"सर्व तुवें सांगल्लें आयकातां आनी कर्ता म्हण चिंतिनाका. चाकोर म्हण चिंतून घेतलांय तुवें. कितें करुंक जाया तें कर. *'Sick minded'* बळान रिसीवर सकयल दवरलें चौधुरीन.

रागान तो कांप्तालो. रोहनाक भितर रांवचें या भायर वेचें म्हण चिंतचें आदीं बसवंक हिशारो केलो ताणें.

कितें निचेव केल्याय तुवें? चौधुरीन वेळ पाड करुंक नां. मेजाच्या कोनशाक आसचो 'एमिरेटस एरलैन्स' हाचो लकाटो रोहनाच्या गमनाक वचानासताना रावचो नां.

शाश्वत रजेर रांवची अलोचन केल्यायगी? चौधरिच्या उत्रानीं गंभीरायें संगीं व्यंग्यता आसल्ली.

"व्हय" रोहनाच्या तोंडा थावन चिंतिनासताना म्हळ्ळे परीं उचारल्लीं.

कितें पतऱ्यान सांग!? चौधुरीन ना पात्येणीं लिपंवचें प्रयल करून नाटकीया रितीर

कान मुखार हाडले.

हावें निचेव केल्याकी ह्या वग्ता म्हाका कुटमाची गर्ज आसा. त्या खातीर म्हजें रिसैन लेटर तुका पावीत जातालें. रोहनाचीं उत्रां स्पषट जावनासल्लीं.

ताच्या हातांची कांपणी रावल्ली. उलवण्यांत दृढता आसल्ली. भैं पयस सारल्लें. कुडिच्या शिरांनीं एक विचित्र सकत चरल्लो अनुभव जातालो.

रग्तांत ताच्या एका थराचो स्पिरीत भरल्लोकी एदोळच्या जिण्येंत संसाराच्या खंच्याच्च स्कोच विसकेंत मेळवंक नातल्लो.

तुजें अधुरें उबें जाल्लें घर? चौधुरिच्या उत्रांनीं गंभीराय कर्गोन येंवचें रोहनाक भास जालें. ''हावें निचेव कर्न जाला''. रोहनाचो निचेव दृढ जावनासल्लो. थोड्या घडियेच्या मौनांत चौधुरिच्या कपाला थावन बारीक घमाचे थेंबे फुटोन येंवचें रोहनाचीं गमनाक वचानासतान रावलें नां.

''हांव तुका एका हफ्त्या खातीर तुर्तू रजा दीवंक सक्तां'' चौधुरिचे चस्मा पाटले दोळे आपल्या दोळ्यांक मेळवंक चडपडचें रोहनान समजोन घेतलें.

चौधुरिच्या मोवाळायेचो मतलब जाणां जावंक चडीत वेळ लागोंक नातल्लो.

''हावें केल्लो निचेव सार्को म्हण भोग्ता म्हाका'' रोहन घडियेन घडी चतूर जावन येतालो.

''तितलें मात्र नहीं आसतां तुका चडीत सांबाळ मेळचे बरीं कर्तलों'' चौधुरी आतां संपूर्ण धर्णीक देंवल्लो. ताचें असहायकपण रोहनाच्या गमनाक गेल्लें.

चौधुरीक खंच्याय थरान ताची गर्ज आसल्ली. ताका सांडुंक नाका आसल्लें.

एदोळ चलोन आयिल्ल्या बरीं भेषटावणी आनी घर्जोणिचो खेळ सांपोन जाल्लो.

अवकास रोहनाच्या दारार उबो जाल्लो.

ल्हान मुनाफयाच्या सोल्ल्याक ओपवोंक नजो म्हण सुसताल्लें.

चौधुरीन 'टी बोया'क विरारायेन म्हळ्ळयाबरीं उलो मारलो.

कोयतेची मूट हातक आयिल्ली.

चौधुरिचें कांपेऱ्या वर्तनांत संपूर्ण चित्रण दिसोन येतालें.

रोहना विणें प्रोजेकटांत संपूर्ण माहेतिगार कोणंच नातल्लो.

थोड्या तेंपा आदीं खाली जाल्ल्या इंजिनियराच्या जाग्यार कोणी येवंक नातल्ले.

महिन्या आदीं गेल्ल्याच्या जाग्यार भर्ती जाल्ल्याक कितेंच कळीत नातल्लें.

रजा गालून आपल्या भावाच्या काजाराची तयाराये खातीर पतीण पाटीक पडल्ली नां तर भूगऱ्याक घेवन गेल्लीं पाटीं येना म्हणोन धमकी दिल्ली.

मेजा वयल्या लकोट्यांतलो टिकेटी चौधुरी आनी ताच्या कुटमाचे म्हण रोहन जाणा आसल्लो.

''म्हजें '*Final Settlement*' करुंक कितलो वेळ लाग्तालो'' रोहनान अखरेचो फातर उडयलो.

कित्याचेंच भ्यें ताका नातल्लें.

होगडांवच्या तसलें कितेंच नातल्लें.

"पुरो रावया हांगासर" रोहनान अवकासाचो चडीत. फायदो जोडचो चौधुरीक पसंद जालें नां.

"आज थावन तूं कोंट्रेकट कामेली नहीं. तुका कंपेनिचो *Direct* उद्योगी जावन नम्यारुंक शिफारस कर्ता.

प्रोजेकटाचो '*Lead Engineer*' हुद्द्याची जवाब्दारी दितलों. पयलें प्रास तिदोडो सांबाळ तुका मेळतालो. तशेंच हेर सर्व सवलातायो तुका फावो जाताले. हाचे प्रास चडीत कितेंच विचार्नाका. '*This is the limit*' चौधुरी अधिकारान उलयलो. "तशेंच तुर्ताच्या कामान धा दिसां खातीर रजेर गेल्ले तवळ म्हजें काम सांबाळुंक तुका जवाब्दारी दितलों".

"तशेंच तुजे वैयक्तीक समस्ये म्हजेर तूं थापचोनांय" रोहनान अखरेचें शर्त दवर्न जागो खाली केलो.

केबिना भायर उमकाळायिल्ल्या हर्शांत पळेताना तकलेवयले केस आपल्या जाग्यार शाबितायेन रावल्ले.

मुखार आयिल्लो दांत वोंठां मधें लिपवंक चडीत कषट भोगलें नांत.

"फाल्यां थावन दिसाक तीन पावटीं 'कोफी' हाडुंक विस्रानाका" हर्शें गण्णें करिनातल्ल्या मुखार मेळल्ल्या 'टी बोय' रोहनान ताकीद दिली.

अशें समाप्त जांवच्या फुडें...

चौधुरिचे भेषटावण्यो रोहना थंय चडीत भ्यें उबजावंक सकले नांत. खंच्या रितीर बरफ एका हंतार धंडाय दीवंक सकोंक नातल्ले बरी.

'*Saturation Point*' रुता जाल्लें.

चौधुरी बरीं असकतांक धणसुंचा मनशां....

आयका हांगा....

हऱ्येका मनशा थंय समासम मापान आत्मविश्वास आसा. केदाळा तो जागो जाता म्हण कोणंच पार्कुंक सकचिंनांत. आज होच्च आत्म विश्वास रोहनाक जागायिल्लो....

जावंक पुरो...

एका उदकांत बुडच्या मनश्याक काडियेच्या आधारा मारिफात... अंधकारांत चल्ताना वाट दाखंवच्या दिव्या मारिफात...

माज्राक सर्व वाटो बंध करून शिकारी कर्तेल्यांचेर माचऱ्या दावले मारिफात...

या चौधुरी तसल्यानीं धर्णीक शेवटायिल्ल्या वेळार...

तोच्च आत्म विश्वास...

ताका भेसां कर्तेल्याचेर उपराटतलो!!

*** – ***

समासम

टाटा सुमोचें बागील बळान बंध करून जोनीन शीनाक देवोंक उलो मारलो. हातांतल्या कोंब्याक जोनिच्या हातांक बदलून पायांथळा थावन रगतांत भीजल्लें पोतें आरावन शीनान जोनी पाटल्यान हळू मेटां काडून सस्पोनशें म्हळ्ळेंबरीं काळोकांत मेटां काडुंक लागले.

जोनिच्या हातांतलो कोंबो चवत्या पावटीं जीकल्लो. कोंब्या काटांत भर्पूर माहेत आसल्ल्या शीनान पोत्यांत आसल्ल्या मेल्ल्या कोंब्याच्या पांयां पाटल्या अर्वाय (ल्हान बोट)क पोशेलें. अर्टाय लांब आसल्ल्यांत कोंबो जून आसा आनीं चडीत वेळ लाग्तालो. उकडुंक म्हणोन जोनीक अभिपराय दिल्ली.

आपल्या कोंब्याची जीकच्च आपली जीक म्हणोन समजल्ल्या जोनीन शेंक्रें पोशेवन आपले मिशियो वोळायलो.

मोव मातिये पंदा थावन चूपायेन भायर तिळच्या जल्लीं फात्रां थावन चन्रायेन चल्ताना उज्वाडाची गर्ज तांकां आसल्ली.

"हो एक लायट बंध करून खंय मेला" जोनिच्या धाकट्या भावाचें घर पाशार जाताना वोंठार आपशेंच गाळी उबजाताल्यो.

जेरी जोनिचो रग्ता संबंधी भाव तरी एकामेकाचे कठीण दुस्मान जावनासल्ले. आपलें रगात पर्की जाल्लें.

एकाच्च बापय थावन जल्माल्ले पूत म्हणोन संसार ओपवोंक तयार नातल्लो.

आपणाच्या पोटा थावन जल्म दिला म्हळ्ळें कोडू सत मानून घेवंक तांच्या आवयक मानून घेवंक मर्तासर कषटाचें जाल्लें.

ते दोगी एकामेकाच्या उदर्गतेक आड पांय दीवंक अवकास सोधताले.

जोनी आनी जेरी एकलो दूसऱ्याच्या अवनतेक झूज मांदून आसल्ले.

'धड...'

वाटे मधेंच म्हणोन आसल्ल्या मोडा काट्या वयर दवरल्ल्या जोनिच्या पांयांक एक फातर आदळल्लो. पयलेंच थकोन आनी सोऱ्याच्या अमालार आसल्ल्या जोनिचें नियंत्रण चूकल्लें तरी शीनाच्या मजतेन आनी चुरुकायेन धर्णीक पर्तोंच्या जोनीन लागशिल्ल्या माडाक धरून आपणांकच्च आधार्सिलो.

"धळदीर पडल्लो माड खंचो. नां जावन तो मराना या ताचो वारेसदर" कठीण दूख ताका भोग्ताली तरी ताचे मधें जेरीक शिराप दीवंक ताणें गळाय केली ना. मोबायलाच्या उज्वाडान पळेताना उज्व्या पांयाचें व्हडल्या बोटाची नाक्षी उटोन रगात व्हाळतालें. बल्सांतल्यें सोऱ्याचें क्वाटर उग्तें करून तुर्तान दोन कुलेरां भर सोरो ताचेर वोतलो जोनीन. धर्णिच्या मातियेंत जिरोन वेच्या सोऱ्याक पळेवन आंवडे गळंवच्या शीनाक जोनिच्या दुःखी वर्वी चडीत आकलास भगले.

सोसुंक तांका नातल्ल्या दुकीन जोनीन मळबाक दीषट लायताना माडाच्या कुब्यार बसोन जेरी आनी ताचेसंगीं नारल, बोंडे तशेंच बोंडियो ताका पळेवन हासतात तशें

ोगलें.

"शिकयतां बूद" रागान आपलेतल्याक दांत किरलिले ताणें. शीनान कोंबो रांदून ाल्लो.

मासा संगीं जाया पुर्ती सोऱ्याची बंदोबसतयी आसल्ली!! अंगणांत उबो आसल्ल्या जोनीक पन्नास मिटरां भितर आसचें जेरिचें घर आनी ताचेलागीं आसचो जेरिचो माड जो थोड्याच्च वेळा आदीं दूख दिल्लो दिषटी वर्तुला भितर आसल्लो!

जोनी आनी जेरी मदल्या वर्सां आदीं थावन देंवोन आयिल्ल्या दुस्मानकायेचें एक मुख्य कारण हो माड जावनासल्लो.

व्हय हो माड!

भारत आनी पाकिसताना मधें काश्मिरा खातीर चल्च्या झगड्या बरीं म्हण सरी कऱ्येत आसल्लें.

जोनीक आपलें वाहन रसत्या देगेन राववंक नाका आसल्लें. घरा म्हणासर रसतो करुंक ताका जेरिचो माड अडकळ जावनासल्लो.

जेरीक रसतो जांवचो नाका आसल्लो. जोनिच्या वाहनान आपल्या घराचेर धूळ उबंवचें ताका पसंद नातल्लें. तितलें मात्र नहीं जोनीक असमाधानेंत तशेंच हर्शें ओत्तडांत दवरुंक हें एक 'ट्रंप' कार्ड जावनासल्लें. दोगां मधें वर्सां थावन उलवणें नातल्ल्यांत जोनीन जेरीक माड काडुंक सांगचे बरीं नातल्लें.

असल्या संधरबार जोनीन फिर्गज पाद्रिची ससाय विचारल्ली.

विगारान वाड्याच्या गुर्कारान सांगाता घेवन विवाद परिहार करुंक प्रयत्न केल्लें.

दोगां मधें वाद-विवाद चल्लो.

जोनीन रसत्या खातीर अडकळ माड काडुंक जेरिचेर ओत्तड गालो.

"आसत वांटे कर्ताना व्हड भाव जोनीन अपूण मालघडो म्हळ्ळ्या कारणा खातीर मालघडें घर आनी चडीत वांटो दवरला म्हण जेरीन फीऱ्याद दिली. समा सम वांटो दिला आनी साकऱ्या मापान नारल जांवचें माड वांटल्ले. जेरीन साकऱ्या रितीन पोस करिनासताना पाड केलें" म्हणोन जोनी दुर्सालो. माड कातलऱ्यार आपणाक व्हड लुक्साण जाता म्हण जेरीन वाद मांडलो.

बिल्कूल फायदो नातल्ल्या माडा बदलाक विंगड बरो फळ दिंवचो माड दीवंक विगारान आनी गुर्कारान अभिपराय उचारली.

आपल्या नाणियेचेर बागाल्ल्या माडाक जेरीन बली विचारली तरी जोनी ओपवोंक तयार जालो नां.

खंयच्या रितिचें इत्यर्थ केल्यारी तांच्या तांच्या दिषटिंत समा सम दिसलें नां.

'तुमिंच समा सम कर्न काणघेया' म्हणोन मध्यस्थानीं जागो खाली केलो.

जोनिची नाक्षी फडा फड दिताली!

गूंड चिंत्पांत बुडोन गेल्ल्या जोनीक पळेवन शीनाक जोनिचीं सिंतिमेंतां समजनासताना

रावलिंनांत.

"नायका, जेरी नायक आज घरा नां" शीना जोनिच्या काननीं पुस्पसलो.

जोनिची प्रश्नार्थक दीषट समजाल्ल्या शीनान मुंदर्सिलें. विंवण्यागेर जेवाण आसा. फाल्यां पाटीं येता! अवकास बरो आसा.

"म्हळ्ळ्यार!?" जोनीन आपलो ग्लास भरलो.

जोनिचो भांदल्लो कोंबो भोव रुचीक आसल्लो. धादोशी मापान म्हळ्ळें बरीं जोनीन सोरो हाडल्लो. धनियाच्या ह्या बऱ्या मनान शीना संतुषट जाल्लो मात्र नहीं आसताना प्रत्युपकार जावन ताका कुमक करुंक आशेतालो. भितर वचोन 'हिंग' आसल्यार हाड. बुराक कर्न भितर चेपल्यार हफ्त्या भितर माड मोर्ता. शीना थंय आसल्ल्या समस्यांक तूर्त परिहार आसल्लो.

हिंग आसा या नां!? बुराक काडताना आवाज येत तर? पयस म्हणासर आयकोंवच्या आवाजान बोंडे चोर म्हण कोणी उटोन येतीत तर!? माडाक केल्लो बुराक जेरीन पळेलो तर!? जोनीक उपाव तितलो जोक्तो दिसलो नां. तशें म्हण ताणें दूसऱ्या उपावाक धांपण गालें नां.

पेट्रोल!!

एका बोतलिंत पेट्रोल हाडन जोनीन शीनाच्या हातांत दिलो. "व्हय" म्हळ्ळेंबरीं तकली हालवन शीना माडार चडलो. पेट्रोल माडच्या तकलेर या सुळियेक वोतलो तर क्रमेण माड बावोन येतालो आनी मोर्तालो म्हण जोनीन खंयसरगी आयकाल्लें.

शीना पयलेंच जाणा आसल्लो!

माडार चडचेंच काम शीनाचें जाल्ल्यान हाका चडीत वेळ लागवंक नातल्लें...

दीस पाशार जाले... महिनो जावंक आयलो...

माड बावोन आयलो. पयलें तकलेर थावन उपरांत मुळाक... शीन जेरिच्या बागलार उबो आसल्लो.

सांजेच्या मसक उज्वाडांत एका घडियेक शीनाची दीषट बावोन आयिल्ल्या माडाच्या तकले थावन मुळा पऱ्यांत चरवन लुंगी अर्नून बांदली. धव्या मिश्रीत पातळ खाड एका हातान कोर्पून कितेंगी गूंड चिंत्पार पडल्ल्याबरीं आसल्ल्या शीनाक बांकार बसोंक जेरीन हिशारो केलो.

शीना पूजारी!!

जेरिच्या घरा थावन फरलांगा पयस कच्चा रसतो मुगदाता तर अन्येका फरलांगा पयस ताचो व्हड भाव जोनिचें घर सार्कें दाव्या कुशीन पडतालें तर हांच्या घरा मधें त्रिकोनाकारांत म्हळ्ळें बरीं चिक्कें पयशिल्ल्यान शीनाचें बिडार आसल्लें. जोनी–जेरिच्या मालघड्यां थावन ओकलांचीं जावनासल्लीं. बेसाय आनी मोडां तोटानीं त्या काळार शीनाचो बापय काम कर्तलो तर तांचे उपरांत तिच्च रीत मुखल्या संततेकयी देंवोन आयिल्ली. शीनाक जोनी व्हड धनी तर जेरी ल्हान सावकार!! जोनिच्याकी दोन वर्सां ल्हान तर जेरी वर्नीं लगबग एक वरस व्हड तो.

भुर्गेपण ताणीं सांगातां काम आनी खेळांत खर्चिल्लीं. आयच्या दिसा दोगां भाभावा मधें कठीण दुस्मानकाय उबी आसल्ली तरी शीनाचो संबंध दोगां थंय समोन आसल्लो. ह्या विशीं दोगांय भावानीं आपल्या पाडतेक वोडुंक प्रयत्न करुंक नातल्लें.

हाचे वर्वीं सर्वांक फायदो आसल्लो.

तांकां शीना मारिफात एकामेकाचे खबरो मेळताले तर शीनाक सोऱ्याची बंदबसत जाताली.

माडार चडोन नारल काडुंक शीना तितलो चतूर त्या वठारांत कोणी नातल्लो.

सोरो पियेवन जीब गुस्पोडोंक पुरो. पांय लकोंक पुरो. पूण माडार चडोंक ताका दीस या रात. पावस या वोत! व्हड या ल्हान ताका गण्णें नातल्लें.

अशें वठारांत सर्वांक ताची गर्ज आसल्ली आनी आज जेरिच्या घरा सांजेची मांडवळ जाल्ली. आयताराचें जेरिगेर मासा जेवाण आसता आनी ताची बायल बरेंच रांदता म्हण ताका कळीत आसल्लें.

वोरां रातिचीं म्हण ताका कळीत आसल्लें.

तीन क्वाटरां काबार जावन चवतें भायर आयिल्लें. जेरीन तीन पावटीं मास चाकण्यां खातीर हाडल्लें! शीनाक इतलें रुचीक जाल्लें की तो हाताचीं बोटां लेंवतालो. शीना जेरिच्या आनी ताच्या बायलेच्या धादोशी मनांक मेचवाल्लो. पाटीं दिंवचें तसलें ताचे कडेन कितेंच नातल्लें तरी जेरीक संतुषट करुंक तो आशेलो. मेल्लो माड!!

तिदोडो फायदो! जोनीक... जेरीक... आनी आपणाक!!

उपकाराक पडा नातल्लो मेल्ल्या माडाक आपणान गिरायक हाडल्यार जेरीक कांय तरी पयशें मेळताले.

जोनीक घरा पऱ्यांत कार हाडुंक रसतो जातालो! आनी लांकुडाच्या दुखान वाल्या थावन आपणाक कमिशन!! चवतें क्वाटर उग्तें जाल्लें...

जेरी मुकार शीनान एका बुद्वंत व्यापाऱ्या बरीं प्रसताव दवरल्लो!!

एका घडियेचें मौन!!

आनी एक दीर्घ दीषट जेरिची त्या सूकल्ल्या माडाचेर जेरीन व्हड एक घोंट मारलो!

निर्धार ताणें कर्न जाल्लो.

"नां" बोबाटलो तो. म्हज्या सलवणेंत अन्येकल्याक जयत? म्हज्या दुःखिंत ताका संतोस!? म्हज्या नषटांत ताचो फायदो!?

"केदिंच नां!"

हांगासर शीनान चिंतल्ले बरीं जालें नां.

सोरो मुगदल्लो! दोगांकी धादोशीं जाल्लें!

शीनाक जेरिचीं सिंतिमेंतां समजालीं...

त्या मंद उज्वाडांत जेरिच्या पोल्यानीं देंवोन येंवचीं दुःखां ताणें पळेलीं...

जोनी आनी जेरी मधें वांटो जाताना समासम जावंक नातल्लें म्हण तो जाणा आसल्लो!

नीज जावन ताका जेरिची भिर्मत दिसली!

तुजो माड कसो मेलो म्हण तूं जाणांयगी?

शीनाच्या पुस्पुश्यांक 'नां' म्हळ्ळे बरीं जेरीन मातें हालयलें.

व्हडल्या धनियान माडाच्या तकलेच्या सुळियेर 'पेट्रोल' वोतून ताका लगाड काडलो!

पतऱ्यान थंयसर गंभीर मौन राज करुंक लागलें. ह्या तीन मिनुटांच्या मौनांत फकत्त जेरिचो बराधीक उस्वास आयकातालो...

रागान मुटी अर्निल्लें दिसतालें. दांत किरलोण्याचो भास जातालो...

ताच्या मेल्ल्या माडा पाटल्यान उबारायेर रसत्या देगेन चांदन्याच्या उज्वाडाक कितेंगी पर्जळचें ताका भास जालें.

जोनिचें कार!!

थोड्याच्च वेळा आदीं शीनान ताका आयकोंक नाका जाल्ली खबार दिल्ली.

शीना, सबार वर्सांदीं थोडो तेंप तुवें ग्यारेजिंत काम केल्लो म्हाका उगडास आसा. गाडी धुंवची सोडल्यार आनी कितें तूं जाणांय? चल्ची गाडी चलानातल्ले बरीं करुंक? जेरी फारिकपणाक उपाव सोधतालो.

"पेट्रोल टांकियेंत फातर, साकर या आनी कितें गाल्चे विशीं आयकालां" शीना मतलब समजाल्लो.

शीना, मोलऱ्यार बळान मोरुंक जाय. तितलें मात्र नहीं कोणें आनी खंय थावन म्हणोन कळीत जावंक नजो. पेंकडा सकयल मार्न कितें फायदो?

"म्हणजे!? सार्कें समजोंक नां धनिया" शीना गुस्पडल्लो.

"एंजीन *(Engine)* जावनासा गाडियेचें काळीज. आनी काळीज काम करिनां तर जीवाचो अर्थ नां" *Engine oil* (एंजिनाचें तेल) टांकियेंत दोन जिवीं तांत्यां भर्शिल्यार एंजिना भितरल्या उषणतेंत भितर 'आम्लेट' जाता मात्र नहीं आसतां चलात्त आसल्ली गाडी आपशेंच बंध पडता. काराण सोधून काडचें कषटांचें मात्र नहीं आसतां लांब काळाचें जावनासता". जेरिचीं उन्रां मुग्ताताना ताच्या हातांत दोन तांतियां आसल्लीं. चंद्रेमाच्या मंद उज्वाडान शीना तांतियां घेवन गाडी आसल्ल्या तेवसीं चमकोंचें जेरीन अंगणा थावनंच चोयलें. "एदोळ तुका कळीत नातल्लें. आज आयकालेंय आनी फाल्यां तें रुजू जातालें" जेरिचीं उन्रां पतऱ्यान उगडास काडून एंजिनाच्या तेलांत तांत्या घोडन गालीं. असो दुस्रो सकाळ उदेलो...

हर्शेंच्या बरीं वठारांतल्या इसकोला भूगऱ्यांक पावंवच्या कामार जोनीन गाडी काडल्ली.

इसकोलाक लागीं जाताना एक पावटीं गाडी बंध पडल्ली...

उपरांत बजारा कडेन वेताना दुस्रें पावटीं बंध पडल्ली. सबार प्रयत्ना उपरांत चल्ली तरी

घर्च्या वाटेर पतऱ्यान रावल्ली.

घरा थावन एका फरलांगा पयस बंध पडल्ल्या उपरांत हर प्रयत्नानीं पतऱ्यान चालू जाली नां. देदेस्पोर जाल्ल्या जोनीन टयरांक बळान खोट मार्न घर्ची वाट धरली.

वोरां साकाळिंचीं ९.४३ जातालीं...

एक बोबाट आयकाली...

जेरी उदेंतिच्या तोटा तेवशीं धांवतालो...

चिक्केशें पाटल्यान जेरिची बायल सारारां मेटांनीं... गेंदाळी माडा मुळांत सुत्तुराचो लोक जमल्लो!!

"शीना पूजारी माडार थावन पडला" म्हळ्ळी खबार घड्येन विसतारली!!

माडार थावन पडल्लो शीना दुकेन पिंर्गातालो.

जमल्लो लोक जोनिच्या गाडियेर गालन आस्पत्रेक व्हर्ची विलेवारी कर्तालो...

एका फरलांगा पयस पाड जावन उबी जाल्ल्या गाडियेक चालू कर्न नशीबाक भर्वसच्या जोनीक अदृषटान हात धरलो नां.

अधऱ्या वोराच्या प्रयत्ना नंतर लोका जम्या मधल्या एकल्यान एंबुलेन्साक उलो मारल्लो.

अखरेक तरी शीना आस्पत्रेंत पावल्लो!!

आनी आस्पत्रेच्या खाटल्यार शीनान अखरेचो स्वास सेंवलो!!

शीना मरोन पडल्लो!!

दाक्तेरांच्या अभिपराये पर्माणें अधऱ्या वोराची गळाय जाल्ली!

'जोनिची गाडी पाड जायनातल्ली तर शीना वांचता आसल्लो' लोक चुर्चुर्तालो!

आनीं शीनाच्या मरणाचो चट्टा तयार जातलो.... वोरां १२:२३ जावन आयलीं...

शीनाच्या मोबायला थावन जेरिच्या बायलेक फोन आयलो... जेरी देगेनंच आसल्लो.

शीनाच्या माड्याक चट्टा दवरुंक सुक्या मोडाची गर्ज आसल्ली...

लोका मधल्या कोणेंगी जेरिच्या मेल्ल्या माडा विशीं उल्लेख केल्लो...

जेरी एका घडियेक चिंतुंक पडलो.

"जेरी घरा नां, भायर गेला" म्हण सांग म्हणोन पाटल्या बागलांतल्यान जेरी चोरियां निसालो...

शीनाच्या निर्जीव कुडी थावन उज्याचे जिबो अंत्राळाक उबताले तर कुडिंतलें तेल आनी उदाक जळच्या लांकुडा मधें धर्णीर देंवताना लोक ताच्या मर्णाची साक्स जावन भोंवती उबो रावल्लो!!!

*** – ***

टेबल नं १३

जनेर १४ तारीक १९८७.

हो दीस रोहनाक विस्रोंक सकानातल्लो दीस जावनासल्लो.

रोहनाचेर उग्त्यान हल्लो जाल्लो.

पाटल्या तीन वर्सां थावन म्हणजे धावेंत, इक्राव्यांत आनी बाराव्या क्लासिंत खेळांत चांपियन जावनासल्लो. थोड्याच्च वेळा पयलें चांपियनाचें कप उबारल्ल्या उपरांत जाल्ल्या ह्या घडितान ताका दुखेसत केल्लो. खेळा स्पधऱ्याच्या प्रेमिंचो 'हीरो'क त्याच्च मैदानार मसतिल्लें.

एका काळाच्यो खास मित्र जावनासल्ल्या विजय आनी ताच्या सांगात्यानीं कप उबार्च्या समारंभांत अवमान भरीत उन्नानीं बोबाट मारल्ली.

'ब्ल्याकी' म्हण ताच्या काळ्या कातिच्या रंगाचो तमाषे केल्ले.

त्या रागान रोहनान विजयाच्या कान्सुलार बळान अर्नून थपाड मारल्लें. ताचो परिणाम जावन विजयाच्या सांगात्यांनी. रोहनाचेर अक्रमण केल्लें. एकल्यान स्पायक्स *(SPICS)* आसल्ल्या मोच्यानीं ताचीं जांगळांक बुराक केल्लो तर अन्येकल्यान दोळ्यांक पंच मारल्लें. तीसऱ्यान पोटाक मुठिंसचो शिंवोर वोतल्लो.

वयल्यान अचानक तशें दिसतालें तरी बरिच्च तयाराये संगीं हें घडीत जालां म्हण रोहनाक भोगल्लें. एक नहीं तर एक दीस आसा म्हणोन ताका कळीत आसल्लें तरी आयच्या दिसा आनी ह्या परीं म्हण ताका बिल्कूल दुबाव नातल्लो.

पांयाच्या जांगळा थावन तशेंच कपाला थावन झरी बरीं देंवोन येंवचें रगात ताणे पुसून काडलें. पूण भगल्ली नालिसाय ताका पोसून काडुंक जालें नां. ब्ल्याकी!! ताच्या काळस्या रंगाच्या व्यक्तित्वाचेर हल्लो जाल्लो. बापात ताचो त्याच्च इसकोलाचो मेसत्री! ताच्या असतित्वाचेर आक्रमण जाल्लें.

रूबी थंयसर उबें जाल्लें!

रूबीक पळेवन विजय आनी सांगात्यानीं आरायिल्लो रोहनाचो शर्टाचो कोल्लर सोडून ताणीं जागो खाली केल्लो.

कित्याक!? झगड्याचें मूळ कारण थंयसर हाजर आसल्लें. आनी ह्या कारणाक लागून दोन आप्त मित्रां मधें दुस्मानकाय उबी जाल्ली.

रोहन, अशें जावंक नजो आसल्लें. ' *I am so sorry to see you* ' रूबीन भिर्मत उचारल्ली. 'हाका तूं एक कारण जावनासाय' रोहनान शीदा उन्नांनी रूबिचेर अपराद मांडलो.

'हांव कशें? मतलब म्हाका समजोंक नां' कपालार थावन देंवोन येंवचें रगात पळेवन रूबीन आपलो तुवालो ओड्डायलो.

'नेणार्पणाचो वेस पांगुर्नाका' रोहनान रूबिचो तुवालो इनकार करून म्हळ्ळेबरीं आपल्या हातांनीं कपाल गसटिलें.

'तुवें सार्के सोडवन सांगोंक नांय' रूबी थंय गुस्पोडाय दिसोन आयली.

''स महिन्या पयलें म्हजे थंय इतलें लागशिलें आसल्लें तूं आतां कशें इतले पयस जालेंय? गोऱ्या कातिचें आकरषण? त्या गिटारा थावन येंवचो सुमधूर अवाज? या मोटार बैकाचेर भंवची आशा?'' रोहनान कितेंच दाक्षेण नासताना सवालां उडयलीं.

रोहन विजयाचें नांव वापारिनासताना उलयलो तरी उल्लेख ताचे विशिंच म्हणोन रूबीक समजालें. ''तुज्या चिंत्पाचेर तुका संपूर्ण हक्क आसा आनी हावें आयकोंवचें गर्ज म्हण भोग्ता'' शांत रितीर रूबीन मुंदरुंक उलो दिलो.

चामड्याच्या रंगाचेर गर्व आसल्ल्यांक चडीत काळाक ती बाळवाना. ''कुडी भितलऱ्या काळजाची सोभाय पार्कुंक सर्वां थंय साध्य नां'' विजय आनी रूबी विशीं कोडसाण रोहना थंय उटोन दिसताली.

तुज्या दोळ्यांनी भयानक तूफान हांव पळेवन आसा. ह्या क्षणा तुज्या सवालांक कितेंच जवाब दीवंक हांव सकचीं नां. उत्रां संगीं रूबीन पाट केली. पयस पयस पऱ्यांत तो ताची पाट पळेवन रावलो. आनी केदिंच तें पाटीं येंवचें नां?

एका घडियेक असलें चिंताप उदेलें तरी खंडीत पाटीं येतलें म्हण भर्वसलो तो... तितल्या सलीसायेन ३० वर्सां ताणें विस्रोंचें बरीं नातल्लीं.

युवक संघ थावन प्रारंभ जाल्ली ओळक... ब्याडमिंटन कोर्टांत इषटागतेंत बदलाल्ली.

सदां सांजेच्या खेळांतल्या सळावळेंत रोहनाच्या काळजांत मोगाच्या रुपार रोंबल्ली ती ताकाच्च कळीत नातल्ली. सदांच ताचीं चिंत्नां. दीस आनी रात! जेवताना या निदतानां! आनी कसल्याचिच्च पर्वा नां म्हणोन. पिंतुरानीं पळेवन 'अशें जावंक साध्य नां' म्हणोन दूसऱ्यांलागीं शर्तां मर्च्या व्यक्ती थंयच बदलावण जाल्ली. तांच्या ह्या ल्हान प्रायेची चिंता ताका जाली नां. रूबिच्या बावले साकऱ्या सोभाये संगीं आपणाचें व्यक्तित्व तुलन करुंक तो सकलो नां.

तांचे मधल्या आर्थीक अंतसतेची पर्वा ताणें केली नां. रूबी थंय आपल्या काळजाची भोगणां उचार्चें धयर करुंक ताचे थंय जाले नां.

फकत्त ताचो मोगाचो मित्र विजय मतायसाच्या खांद्यार तकली दवर्न स्वपणां पळेवंक लागल्लो.

विजय रोहन आनी रूबिचो सामान्य मित्र जावन उदेल्लो.

क्रमेण रूबिच्या नाजूक हातांत 'टेनीस एलबो' *(Tennis Elbow)* दूख उबजाल्ली जाल्ल्यान खेळोंक दाक्तेरान अडवारल्लें.

ब्याडमिंटन खेळा थावन पयस रावाजाय पडल्ल्या रूबीन संगीतांत अभिरूच प्रारंभ केल्ली. आनी ह्या वेळार विजय एदोळच्च संगीत क्षेत्रांत सक्रीय जावनासल्लो.

एक बरो गिटार वजंत्री.

कालेजिच्या ब्यांडाचो प्रमूख सांदो.

हाचे वर्वी तांचो सांगात वाडात्त गेलो.

विजयाच्या मोटार बैकार ही जोडी कालेजिच्या वठारांत सदांची जाली.

विजयाच्या सांगात्यांच्या वर्तुलांत रूबी दिसोन येवंक लागलें.

खेळा मैदाना थावन पयस जाल्लें रूबी रोहनाच्या भेटेक अवकास होगडावंक पावलें.

रोहन–रूबी–विजय!!

त्रिकोन प्रेम कथा!!

यश चोपराच्या हिंदी पिंतुरा थावन शीदा उबारल्ल्या काणियें तसलें सन्निवेश उबें जाल्लें.

ह्या त्रिकोनाचें एक भूज निस्रावंक जाय आसल्लें!!

विजय वाटे वयलो कांटो जावनासा!!

"रूबिच्या गुलोबी वोडतांतलो कांटो हांव मूळा थावन हुमटून काडतलो" रोहनान निचेव केल्लो!!

विजय, तुज्या सोभायेचेर तुका अहंकार आसा. तिच्च हांव नास कर्तालों.

तुजेच्च कातिचेर तूं कांठळतोलोय!!

रोहन फारिकपणाक अशेलो.

विजयाक धर्णीक शेवटांचोच्च ताच्या जिणियेचो उद्देश जाल्लो.

त्या खातीर एका अयिन्न घडियेक तो राकोन रावलो. फेबरवरी ४ तारीक १ वोरां दनपारां १:०७ मिनुटां... रसायनीक शासत्राचो प्राध्यापक जयंत तांत्रीक सोधून रोहन रासायनीक प्रयोगालयाक पावल्लो. रोहनाक ह्या विभागांत बिल्कूल आसक्त नातल्ली. शिकपांत सामान्य आसल्ल्या ताका अखरेच्या घडिये आपलो दुबाव परिहार कर्ची सवय आसल्ली.

आनी असल्ल्यांक तंत्रीन कुमकेचो हात खंच्याय विद्यार्थिंक नेगार करिनातल्लो.

हुशार भूगऱ्यांचो पसंदेचो मेसत्री!

अधऱ्या दिसाच्या आवदे भितर नकली *(Mock)* परीक्षा घेतालो.

दोन वोरार 'एसीड न्यूट्रलैसेशन' हाचें प्रयोग आसा केल्लो!

थंयसर फो। तंत्री हाजार नातल्लो.

तयाराय कर्न *Lab attender* भायर वेताना तंत्री जेवणाक गेल्ले विशीं कळयिल्लें.

एटेंडरान पुर्ती ३० मेजां मांडून दवरल्लीं.

हऱ्येका मेजाक एकामेका थावन चार फुटिंचो अंतर दवरल्लो.

ल्हान मेज धव्या लुगटान धांपल्लें.

ताचे वयर स्थीर रांवचें जडायेचें लोंकडाचें स्टेंड. ताका शिर्कावन *0-100 ML* म्हणासर म्हजें खांचिचें 'ब्यूरेट' चिमव्यांत शिर्कायिल्लें.

ब्यूरेटाच्या नळिये बरीं आसच्या मूळांत उग्तें बंध कर्ची नळा तसली मांडावळ आसल्ली. हाका 'स्टोपर' म्हणताले.

ब्यूरेटा मुळांत 'बीकर' दवरल्लें.

रोहनान प्रयोग शालाच्या मांडवळेचो विमर्सो केलो.

हऱ्येका मेजार नंबर बरयिल्लो एक थावन तीस पऱ्यांत!

मुळांत विद्यार्थिंची नांवायी बरयिल्लीं.

टेबल नं. १३...

विजय मतायस!!

मुखार उग्तें आसल्ल्या सेलफाचेर आसल्ल्या खांचिच्या बोतलेचेर ताची नदर गेली.

H_2SO_4- *98%* सलफ्यूरीक एसीड अती शुद्ध!!

तंत्रीन दांबून सांगल्लीं उत्रां ताका उगडास जालीं. चत्राय! चत्राय! चत्राय!

"शुद्ध एसीड भोव मारेकार जावनासा, मनशाचें चामडें मात्र नहीं हाडां पऱ्यांत कर्गोंक सक्ता. त्या खातीर पातळ कर्ताना केदिंच ताका उदाक भर्शी नाका. एक थेंबो उदाक पऱ्यांत व्हड अवघात करुंक सक्ता. त्या खातीर उदकाक असीड भर्सून ताका दुरबळ करुंक जाय. ही चूक सबार जण कर्न अनाहुतांक बली जाल्यात".

विजयाक बूद शिकवंक उपाय जळकाल्लो.

सुत्तुरांत कोणाचिच्च जळक नातल्ली.

घडियेंच तो काऱ्यरूपाक देंवलो.

चत्रायेन म्हळ्ळयाबरीं एसीड ताणें एका नितळ बीकरांत देंवयलो.

ब्यूरेटांतलें द्रव उडवन तांतून उदाक भरलें. टेबल नं. १३ आतां आयतें जाल्लें.

विजयच्या हाता थावन एकच्च एक थेंबो उदाक ब्यूरेटा थावन भीकरांतल्या एसिडाक देंवतालें. आनी ताचें मुखामळ इतलें विद्रूप जातालेंकी कोणच्च ताका ओळकोंक सकचेनांत.

'*Perfect*' म्हण रोहन थंय थावन निकळ्ळो.

ताका आतां तंत्री लागीं कसलिंच सवालां नातल्लीं! वोरां दनपाराचीं ०२:०२ मिनुटां जाल्लीं.

निगदीत वेळ लागीं सरल्लो.

सर्व विद्यार्थी आपल्या मेजा मुकार उबीं जाल्लीं. सर्वांचें रेकोर्ड बूक तंत्रीन जमो केल्लो!!

रूबीन टेबल नं. १९ थावन रोहनाक हात केलो. ताच्या त्याच्च मुग्ध हास्यान ताका आकरषण केल्लें!!

रोहन रेगो! टेबल नं. ७!!

विजय मतायस! टेबल नं. १३!!

वोरां ०२:०५ जालीं...

विजय एदोळ हाजार जावंक नातल्लो!!

घंडियेक एक पावटीं तंत्रिचे दोळे वोचाचेर चर्तालें. विजय एदोळ पावोंक नातल्लो.

०२:०७ वोरार एटेंडर दारार उबो जालो. एटेंडराच्या हातांतल्या चीटी वयलो संदेश वाचून फो। तंत्रीन विद्यार्थिक प्रयोग मुंदरुंक उलो दिलो.

प्रिन्सिपालाच्या केबिना थावन विजयाच्या गैर हाज्रे विशीं संदेश आयिल्लो म्हणोन सर्वांक कळीत जाल्लें. प्रयोगशालांत पुस्पुस्यांचो आवाज रावल्लो....

फो। तंत्रीन एका कोनश्या थावन अन्येका पोंताक पासायो मार्ताना ताच्या मोच्यांचो आवाज सोडल्यार खांचिचे बीकर एकामेकाक अदळोंचें आयकोंक मेळतालें.

विवीध रासायनिकांचो पर्मळ नाकाचीं फुडां फुलायतात तशें भोग्तालें. असल्या वातावरणांत धवोच्च 'एफ्रोन' नेसोन विद्यार्थी आपणाकच एका विज्ञानिच्या स्थानार देख्ताले.

'टक' टेबल नं १९ थावन एक आवाज उबजालो. रूबिच्या ब्यूरेटाचें स्टोपर मोडल्लें.

ब्यूरेटांतलें रसायनीक सर्व मेजार शिंपडालें. रूबिचो प्रयोग अधऱ्यार रावल्लो.

ताचे दोळे असहायकतेंत मळ्ळ्याबरीं फो॥ तंत्रिचेर चरले. एटेंडर जागो साफ कर्चे खातीर मुकार सरलो.

'*O.K. Next class*' फो। तंत्रीन रूबीक भायर वच्येत म्हण उलो केलो.

रूबीन मेजा वयलो रेकार्ड बूक आरावन म्हळ्ळें बरीं टेबल नं. ७ तेणें पाशार जाताना रोहनाच्या कुल्यांक धापुडन म्हळ्ळेबरीं भायर मेटां काडुंक लागलें. पाटीं गुंवोन पळेल्ल्या रोहनाक पोक्री हासो दीवन उज्वो दोळो मोडून मेटां काडताना कोणेंच गमन दिलें नां.

हल्ल्या उपरांत रूबी थंय संपूर्ण बदलावण जाल्ली. रोहना थंय ताका हुसको आसा म्हणोन ताच्या नडत्यांत कळीत जातालें.

अवकास मेळल्ल्या पर्माणें उलंवचें प्रयत्न कर्तालें. क्लास रूमांत तवळ तवळ रोहना तेवशीं गुंवोन पळेतालें.

बहुशा ह्या बदलावणेक कारण आसल्लें.

रोहन ताचे थावन पयस रावोंक पळेता तितलें तें ताका लागीं जातालें.

रोहनान रूबीक प्रामुख्यता दिंवची रावयिल्ल्या उपरांत रूबिच्या जिणियेंत एका रितिची पोकोळाय उबजल्ली.

दीस पतऱ्यान पाटीं पर्तातालें.

टेनीस कोर्टाचें वातावरण पतऱ्यान उबजाल्लें. टेनीस एलबोची दूख पतऱ्यान मायाग जांवचे दीस लागीं आयिल्ल्या बरीं जाल्लें.

खंच्याय रितीर रोहन रूबीक आपणाचें कर्न घेवंक मुकार सरल्लो. त्या खातीर हऱ्येका सात्रिफिसाक तो तयार जाल्लो!

रूबिच्या सोभायेन ताका संपूर्ण काळकांत लोटल्लो. 'दणब्ठी एक मिनूट' बागला थावन भायर पडच्या रूबीक फो। तंत्रीन पाटीं अपयिल्लें

टेबल नं. १३!

खाली आसल्ल्या टेबला तेवशीं ताणें रूबीक हिशारो केल्लो.

विजय मतायसाची गैर हाज्री ताका गळायेन चत्राय जाल्ली.

टेबल नं. १३!

रोहनाचे दोळे आनी तोंड उग्तेंच उरलें.

आनी त्या अयिन्न घडियेक...

'भुम्म' एक व्हड अवाज!!

आनी ताचे पाटल्यान कारंजी बरीं पाक्या तेवशीं उसळचें सळसळें द्रव.. ताचे संगीं भंवतीं पासारून येंवची धवी धुंवरी... आनी ताचे मधेगात कानांक कोंकच्या तसली किंक्राट... आनी ताचे मधें धर्णीर कोसळोन पडचें रूबी... संगिंच मेणां बरीं कर्गोन वेचें तें सोभीत मुखामळ!!

दोळ्यांक काळोक येवन धर्णीर शेवटांवचे पयलें किंक्राटो मारून धांवच्या जम्या मधें ती रोहनाची धांवणी!!

अकलास! चुर्चुरे! आनी पश्चात्तापा सवें उदेल्लीं तीं जवाब नातल्लीं सवालां.

विजय आयच्या दिसा हाजर जाल्लो तर?

रूबिचें ब्यूरेटाचें स्टोपर मोडानातल्लें तर?

फ्रो। तंत्री रूबीक पाटीं आपवंक विस्राल्लो तर?

शुद्ध एसीड हावें बरिनातल्लें तर!?

जवाब आशेलो तो!!

जडायेच्या मेटांनीं रोहन घरा पावल्लो!

मेजार ताच्या आयच्या तप्पालाचें पत्र आसल्लें.

फेबरेर १ तारीक १९८७

सांजेचीं ५ वोरां

मोगाळ रोहन,

आज हांव संतोस पावतां आयच्या दिसा म्हज्या जिणियेचीं १८ वर्सां संप्तात.

खंयच्या रितीर तूं म्हाका काळजा आनी मनां थावन मोग कर्तायगी त्याच्च माफान हांवयी तुका पसंद कर्तां.

कुडिच्या सोभाये विशीं सांगचें तर तूं काळजां थावन कितलो अपुरबायेचोगी तितलोच्च भायलो रंग सुंदर!!

सोभाय, अंतसत या कसलिंय सन्निवेशां आमकां विंगड करुंक सकचिंनांत.

विजय, फकत्त एक बरो मित्र जावनासा.

४ तारिकेर सांजेर ५ वोरांचेर 'केमिसट्री ल्याब' उपरांत '*Out Doors*' क्रीम पारलरांत मेळ्यां.

तुजे थंय अधीक मोगाचें

रूबी!!

फेबरेर ५ तारीक....

आस्पत्रेंत रूबी विद्रूप स्थितेर निदोन आसल्ले.

सर्व विद्यार्थी, मेसत्री, सेजार्चीं आनी सर्व भेटल्लीं!!

कर्गोन गेल्ले दोळे तांचे मधें रोहनाक सोधताले... फेबरेर ५ तारीक १९८७ सांपल्ली.. तो आयलो नां!! आनी फेबरेर ५ तारीक १९८८... ८९...–९०... तो दिसलो नां!!

रूबीन संपूर्ण सोभाय होगडायिल्ली....

आनी रोहनान आपलो रंग बदलिल्लो!!

*** – ***

उदेंतिचें मोड

महाबली शेट्टीची दीषट दिगंतार आसल्ली.

दाव्या हाताच्या रोलेक्स वोचाचेर ताणें अभिमानान दीषट चरयली.

साकाळिंचीं ७:०९ वोरां दाखयतालीं.

नितळ धवो मुंडू उबारून बांदलो ताणें. नितळ धव्या रंगाच्या कुर्ताचे बुतांव उगते आसल्ल्यांत हधऱ्यार आसल्ल्या काळया मिश्रीत धव्या लोंवे मधें लगभग धा तोल्यांची भांगाराची चेयन उमकाळताली. उज्व्या हातांत रेवडायिल्ल्या दाट ब्रासलेटाक वाऱ्यार हालवन म्हळ्ळेपरीं पतऱ्यान आकासाचेर गंभीरायेन दीषट चरयली.

बोडगा थावन तेनका पऱ्यांत.

उदेंती थावन असतमते पऱ्यांत.

मळबार काळोकच्च काळोक पडल्लो:

बडगा थावन वारें तेनका तेवशीं वळतालें

"मुडला तेवशीं आवर जालां" मनांतच्च चिंतून आपल्या दाट मिश्यांचेर बोटां चरयलीं.

महाबल प्रकाश शेट्टी!!

दडंग जिवाचो रौडिचो जिनोस तरी तो रौडी नहीं आसल्लो.

'रोलेक्स' वाच आनी भांगार ताची आसक्त जावनासल्ली तरी तो गलफाचो वा उद्यमी नहीं जावनासल्लो.

माजी सोजेर आनी प्रसतूत कृषीक!

'जै जवान, जै किसान!'

देशाच्या दुसऱ्या प्रधानी जावनासल्ल्या लाल बहदूर शासत्रीन दिल्लो संदेश आज पऱ्यांत महत्वाचो जाल्लो.

देशाचा भद्रतिचे मूळ खांबे.

एका नाण्याचीं दोन मुखां जावनासल्ले बरीं.

एक रक्षणेक तर आन्येक भक्षणेक!!

आनी ह्या दोन महान वर्गांत महाबल शेट्टीचो बराबर पात्र जावनासल्लो.

उल्लेख कर्चा तसलें व्यक्तित्व ताचें!!

वीस वर्सां ताणें मिलिटरी सेवा दिल्ली.

शांतेचो काळ तो जाल्ल्यान पाकिसताना संगीं जाल्ल्या दोन आनी चीना संगिंचा एका झजांत ताचो पात्र नातल्लो. पूण गडी रक्षणां थावन बंकरां निर्माणांत तो वावूरल्लो मात्र नहीं आसतां ओरिस्सांत आनी आंध्रांत आयिल्ल्या नैसर्गीक दुरंता थावन सबार लोकांक वांचयिल्लें. असल्या कामांनी सर्कारा थावन मेळ्ळीं मेडलां आनी पदकां अल्मारिनीं सजायिल्लीं साक्स दितालीं.

हाचे उपरांतल्या वीस वर्सांनी जायती बदलावण जाल्ली. मणिपालाच्या सुत्तुरांत सर्कारान ताका निवृत्ते उपरांत भुंया दिल्ली. निर्जन रान गुडो जाल्ल्या मणिपालांत मनश्या वसतेक योग्य नहीं आसल्लें तरी महाबल शेट्टीन भुंय उर्जीत कर्चें खातीर कमार भांदल्लें.

आयच्या दिसा देशाचें विद्या केंद्र जावनासल्ल्या ह्या प्रदेशा मधें मळ्ळ्या बरीं महाबल शेट्टीचें तीस एकऱ्या सुवातेर 'कैलास' म्हळ्ळ्या नांवार एसटेट उबें आसल्लें. भांगाग साकऱ्या मोलाच्या विद्यानगरिच्या मधें वज्राचें थीक बसयिल्ल्याबरीं!

स्व मिनतेन बांधून हाडल्लें 'कैलास!'

ह्या खातीर तो सुत्रा मैलां सदांच सैकल चलवन आयिल्लो.

ल्हान उदकच्या व्हाळा थावन खासगी अणेकट्ट रचल्लें. दोन ओकलांचीं घरां निर्माण केल्लीं. एक सर्व सवलाताये सवें 'फार्म हौस' तयार केल्लें. अंतर राषट्रीय मट्टाची कृषेचो सुफळ प्रयोग जाल्लो.

प्लम, पीच, रंबोट्ट आनी पेरां तसल्यो विदेशी फळ वसतू स्थळीय उत्पन्नांनी बदलाल्ल्यो.

कृषी उत्पन्नांत नवीकरणा खातीर राज्य मट्टाची प्रशसती आपणायिल्ली.

उत्पादकांच्या संघचो मुखेली जावन विंचून आयिल्लो. विवीध सेमिनार ताणीं मांडून हाडल्लीं.

दिसाळ्यानीं कृषीक संघटनाचो नायक म्हण वाचुंक मेळतालें.

अल्मारेच्या अन्येका भागांत ताच्या ह्या साधनांनी मेडलां आनी पदकां भरोन गेल्ली.

सलवणी मळ्ळ्यार कितें म्हण तो नेणा आसल्लो!!

"रवी..." पुताक ताणें व्हडा अवाजान उलो मारलो.

'हांगा ये' म्हळ्ळ्याबरीं हातान ताका हिशारो केलो.

च्हायेचें कोप घेवन घडियेंच रवी बापय समकार उबो जाल्लो.

"उदेंतीन भव दाट मोड जाला. मुडलांत पावस धाराळ पडल्यान न्हंयतलें उदाक मातिये रंगाक बदलाला मात्र नहीं उदकाचें मट्ट फकत्त एक फूट मात्र उरला अवराच्या रुपाक बदलुंक.

बयलाचो घादो आनी बेटाचो रोंपियेल आज तयाराय केलाय. नेज न्हंय पल्ताडिच्या गाद्या थावन हाडुंक आसा. हो वेळ सुक्तेचो जावनासा आनी भर्ती येताना नेज अवराच्या उदकांत व्हाळोन वेचें तशें दिसता". मोळबा तेवशीं हात उबारून हवामानाची वर्दी पुता मुखार सोडवन ताणें पाट केली.

पाट कर्न वेच्या बापायक पळेवन रवी एका घडियेक चिंतुंक पडलो. बळिषठ बावळे हावें असकत केल्यातगी? पाटल्या थोड्या दिसा आदीं...

सांजेच्या जेवणासालांत संवाद हर्शेंचो जावनासल्लो. पूण त्या दिसाचो तर्कांत अंत्य जाल्लो!

बहुशा महाबल शेट्टीच्या मिलिट्री रम्माचो प्रभाव आनी फार्म हौसाच्या दांड्यार बसोन चिंवल्ल्या बियरिचो परिणाम एका निर्धाराक हाडन पावयिल्लो.

दोन विभिन्न व्यक्तित्व मुखामुखी जाल्ले.

फरक आसल्लें...

महाबल धनी आनी कामेल्या मधें जायतें अंतर दवर्तालो. गर्जे भायर सळावळ भिल्कूल नातल्लो!

केल्ल्या चुकीक देंकणो मारून या शिक्षा लावन सार्कें कर्चें प्रयत्न कर्तालो.

कामाच्या वेळार भिंयाचें वातावरण रुता जातालें.

जात कात मधें अंतर दवर्तालो. अशें अन्येकल्याक नीच दाखयल्यार अपूण ऊंच जाता म्हण पात्येतालो. पूण पूत रवी विभिन्न जावनासल्लो!!

कामेल्यां संगीं मोगान चल्तालो. खाण जेवणांत कितेंच तफावत करिनातल्लो.

तांचे संगीं जेवतालो, आनी खातलो.

तांचे सांगातां जाण्वाय वांटून घेतालो.

विभिन्न चिंत्पाचे दोन आडळतेदार सांगाता काम करुंक सकलेनांत.

पूण एक गजाल ते बऱ्यान जाणां आसल्लेंकी दोगां मेसतानीं मेळवन केल्लो एक सूफ केदिंच रुचीक जांवची नां म्हळ्ळीं सांगणी हांगासर लागू जाता म्हण!

"ह्या वर्साची बेसाय तुज्या जवाब्दारे खाल चल्तेली. समासम बेळें काडून तुजीं तत्वां तुवें रुजू केल्यार मुखार हांव केदिंच मेतेर जांवचो नां".

महाबल शेट्टीन पुताचेर शर्त मारल्लें.

"म्हज्या राजांत सर्व कामेली एका पंगडाबरीं ब्राह्मण. कोंकणो म्हार या कोर्गो म्हळ्ळो कितेंच तफावत आसचो नां. हऱ्येकल्याक एकच्च मान फावो. सर्व समान म्हळ्ळें उपरांत त्याच्च आयदानांनी रांदल्लें तेच्च बोशियानीं वाडुंक जाय" रवीन सामाजीक बदलावण मुखार दवरल्ली.

महाबल शेट्टीचो इनकार ताच्या तोंडार उटोन दिसतालो. ताचे पतिणेन असाध्य म्हणोन विरोध दाखयिल्लो. रविचे भयण दिव्यान कठीण थरान तिरसकार केल्लो.

सकयल्या जातिच्या गोविंदा संगीं एकाच्च बियरिच्या बोतलीक तोंड लावन पियेल्ल्या क्षणा या एकच्च बीडी वांटून धुंवर उबयिल्ल्यान नीच जातिचे आमचें समान जायनांत रवी" दिव्यान अक्रोश उचारलो.

मतलब? रवीक दिव्याचें चिंताप पुर्तें समजलें नां. रवी, आमीं सामाजीक या आर्थीक रितीर उंचल्या पांवड्यार आसांव. समाजेंत आमचेंच स्थान आसा.

समान या उंचल्या मधें संबंध आमची उंचाय चडयता. गोविंद तसल्या म्हर या कोगऱ्यां सांगाता तुजी सळावळ आमकां सर्वांक नालिसाय हाडता.

दिव्याक उंचल्या मट्टच्या वर्तुलांत दिसोन येवंक जाय आसल्लें.

प्रामाणिकपणी गाद्यांत रेड्यां संगीं आपलेंच घरा खातीर म्हळ्ळ्या तसल्या चिंत्पान वावूचऱ्या गोविंदाक नीच जातिच्या नांवान कचऱ्याक समान केल्ल्या खातीर दिव्याचेर राग आयलो, मात्र नहीं आसतां आपणाक अक्मानयी जाल्लो.

रवीन विचार बदल्लो नां...

आनीं हठान म्हळ्ळेबरीं ह्या वर्साचें बेसायाचें काम हातीं घेतल्लें.

जुलाय १३ तारीक....

थोड्याच्च वेळा आदीं बपायन ताका येवंक आसच्या उदेंतिच्या मोडाच्या पावसाविशीं हिशारो केल्लो. दोन गादे रोंपियेक तयार जाल्ले. एकाच्च दिसाक!!

तितलें मात्र नहीं आसतां त्याच्च दिसा ताच्या मावशेच्या धुवेचें खराराक घर्च्या सर्वांक वचोंक आसल्लें.

वोरां ०९:३४ जालीं...

कार दारार उबें जाल्लें.

पावस शिरांधारिंनीं वोतोंक सुरू जाल्लो.

रेड्यांक राववन गोविंदा ताच्या खांद्या वयलें जूंव सार्के करून दोरी अर्नितालो.

रवीन गोविंदाक ताकीद दिल्ली.

आवराचो उदाक चडोनच आसा. सकयल्या गाद्यांत उदकाचें मट्ट देंवय. एकादा वेळार वयल्या गाद्यंआत उदाक भलऱ्यार साऱ्याचें उदाक थंयसर व्हाळचे खातीर वयल्या मेरेक 'एरंगडी' दवर. रेड्यांक नितळ करून गोव्यांत भांदून खावंक गाल. आनी ऊरल्ली नेज उंचल्या जाग्यार दवोर. आवराच्या उदका थावन पयस तशेंच शाभितायेन! उदेंतिचें मोड जाल्यान पावस रावल्लेबरीं दिसाना" रविच्या आदेशाक गोविंदान मानून घेतलेलें.

एका कुसतेगारा बरीं घट मूट कूड ताची!

बळिषट तनऱ्या कुडीक दोगांचें काम कर्ची सकत आसल्ली.

वोत, पावस या वारें कितेंच ताका आडंवचे बरीं नातल्लें.

कार अंगणा थावन भायर सर्ताना वोरां १०:०९ जाल्लीं. लागशिल्ल्या सैऱ्यांचें काऱ्यें नातल्लें तर असल्या सन्निवेशांत फकत्त गोविंदाच्या मात्यार जवाब्दारी थपुंक रवीक बिल्कूल मन नातल्लें.

महाबल शेट्टीन मौन सांबाळल्लें.

बहुशा पुताची समर्थी पार्कुच्या खातीर या शर्ताक खाल जावन!

सांजेचीं वोरां ३:५२ जावन येतालीं.

काऱ्यक्रम मुगदोन महाबल शेट्टीचें कार पाटीं धांवतालें. जोरान वोतून आसल्ल्या पावसाक चीर्न म्हळ्ळे परीं पावस अजून रावोंक नातल्लो.

"उदेंतिचें मोड अजून नितलोंक नां" महाबल शेट्टी धव्या जिब्ब्यर पडल्ली कडियेचीं खतां नितळ कर्तालो. रवी सांखोव उतर्ताना न्हया तेवशीं तिळून काराचें वेग चडायतालो.

शेट्टीची बायल शारदा "इतलो पावस पयलें पळेंवचो" म्हण गालांचेर हात चरायताली.

अशें अखरेक तीं घरा पावल्लीं.

'कैलास'ची जयता गेट उग्ती जाताना तांकां थंयसर चिंतिनातल्लें राकोन आसल्लें.

रोंपियेक आयिल्लीं स्त्रीयो आपलें काम संपवन घरा पावल्लीं.

वयलो गादो भरोन कद्दळ उदाक मेरे वयर थावन चाराय कुशिनीं वोमतातालें.

बहुशा गोविंद एरंगडी दवरुंक विस्राल्लो. गोव्यांत रेडे दिसलेनांत. सकयल्या गाद्यांत पाटल्या दिसांनीं लायिल्लें खावन सर्व देस्वाट जालें. चिकलांत बुडोन आसल्ल्या रेड्यांक नितळ करुंक नां आनी बांदून गालन पोटाक गालुंक नां ते स्पषट कळतालें.

आंगणांत गाद्या थावन देंवोन आयिल्लें उदाक एक फूट भर बरोन गोविंदाच्या वसते कुडाक तशेंच ताचे पाटलान आसल्ल्या गुदावांक पावल्लें. गोविंदाक उलो मार्न वसते कुडा तेवशीं वेताना बागलार बीग उमकाळचें पळेवन थंयसर नां म्हण खचीत जाल्लें.

तुर्तान बीग काडून गुदावांत रिगोन दासतान आसल्लें भात सुरक्षीत करिनां तर लेखा वर्तो नषटांत दुबाव नातल्लो.

गोविंदा! गोविंदा! गोविंदा!!

सर्वांनी जोरान उलो मरल्यारी गोविंदाचो अवाज नातल्लो.

साकाळिंची काफी पियेल्लो गोविंदाचो लोटो पांवड्यार आसल्लो!

दोनपाराच्या जेवणाची वाटली लागशिल्ल्या बांकार आसल्ली.

आकांता वयर अकांत!! खंय गेला गाय?

बारीक शें भ्यें सर्वां थंय उदेलें!!

लागशिल्ल्या बांयत ताणी तीळन पळेलें! नां!

ताळ्यांत आनी न्हंयत पऱ्यांत नां!!

'धन्या' कांपेऱ्या हातांक आकाशाक उबारून गोविंद उबो जाल्लो.

'न्हंय पल्तोडिची नेज पऱ्यांत उरली नां धन्या'' गोविंदाच्या दोळ्यांनी आसल्ल्या दुःखां मधें भ्यें, कावजेणी मात्र नहीं आसतां, चोर्पणां पार्कुंक रवीक वेळ लागलो नां.

व्हच आनी बीग उग्तें कर. एकच्च एक काम तुवें सार्कें करुंक नांय. ''अखरेक तरी थोड्यो पुणी भाताचे गोणियो माळ्यार दवर'' रवी घर्जालो.

गोविंदान बोल्याक हात गालून बीगा चावी भायर काडचें प्रयत्न कर्ताना ती ताका मेळ्ळी नां.

अनाहुतां एका वयर एक राकोन आसल्लीं.

रवीन रागान म्हळ्ळेपरीं बागलाक खोट मार्न उग्तें केलें.

गोविंदान तशेंच हेरांनीं रविचो हो जिनोस हाचे आदीं पळेल्लो नां.

घडगड्या आनी जगल्याण्यांनी वीज बंध केल्ली.

'एमर्जेन्सी चार्ज लैट' दिव्याच्या रूमांत आसल्लो. सरारां मेटां काडून दिव्याच्या रूमा थावन बायर येताना कसलोगी परिचीत पर्मळ नाकाक अदाळ्ळो.

लैटाच्या उज्वाडाक दिव्याच्या हांतुळनार कितेंगी झळकालें.

गोविंदाच्या वसते घराची चावी!!

ताचे संगीं मुदो करून आसल्लो. तो बिडिये काट.

त्या हांतुळणे थावन येंवचो गोविंदाचो घामाचो पर्मळ!!

तीं चिकलांत देंवल्ल्या पांयांची मेटां!

दिव्यान तकली फडा फडेचें नीब घेवन खराराच्या संभ्रमाक इनकार केल्लें.

धनपारां उपरांत कोलेजिंत परीक्षा आसा म्हणोन सांगल्लें.

रविच्या आदेशाचें पालन ताणें केलें!

सकाळिंची काफी आनी दनपाराचें जेवाण ताका दिव्यान वेळार दिल्ल्याक बांकार आसल्ली बोशी साक्स जावनासल्ली! भायर आयिल्ल्या रवीन गोविंदाक घोरोज मारली.

“आज थावन ह्या सुण्याक विंगड बोशियेंत धर्णीर बसवन जेवाण घालात. कित्याक ही जात समान स्थानार फावो न्हय. उषटें खांवचेच्च तांची योग्यता” दोळ्यां मुकलो निकाळ म्हळ्ळो हिशारो रविच्या रागिषट दोळ्यांनी झळकातालें.

गोविंदाच्या घामाच्या पर्मळाक कांठळ्ळो तो.

आवय शारदाच्या तोंडार मंद हासो आसल्लो.

पूत साकऱ्या वाटेक पर्तालो म्हणोन!

महाबल शेट्टीन दिगंताचेर दीषट लावन आपले दाट मिशियो वोळायले!

पूता मुकार शर्त जीकल्लो अभिमान आयलो ताका!! आनी त्या दिसा...

रवी एक्सुरो सिग्रेट पेटयलागलो. वांटून वोडच्या बिडियेक कांठळ्ळो.

तशेंच....

‘दिव्या शेट्टी’ची परीक्षा ताणें चिंतल्ल्या तितली सलीस नातल्ली.

उदेंतिचें मोड नितळोन मोळाब निळश्या रंगाक पर्तार्ल्लें!!

*** – ***

सेटिंग

डिसेंबर ३, २०१६

सन्वाराचो दीस तो. आदल्या रातीं वेळ राती पऱ्यांत पार्टी आसल्ल्यांत विनोद हर्शेंच्याकी वेळ कर्न ऊटल्लो.

डिसेंबराच्या २५ तारिकेर ताच्या काजाराक दीस नम्यारल्लो. १५ तारिकेर दोहा थावन वेची टिकेट काडल्ली तर अजून पुर्तें शोपिंग जावंक नातल्लें.

'*Qatar Airways*'न ताका सन्वाराची रजायी दिल्ल्यान ताका तडव कर्न उटचें मन आसल्लें तरी भयण रेन्नीन गावां थावन फोन कर्न ताका गूंड निदे थावन उटयिल्लें. गावांत बाब, मांय आनी रेन्नी भरान आनी भोव उर्भेन म्हळ्ळें बरीं विनोदाच्या काजाराची तयाराय कर्तालीं.

गावांक पावोन फकत्त १३ दिसांनी काजार आसल्लें!!

वाटसापार रेन्नीन कामांची पट्टी धाडल्ली.

लागशिल्ल्या सैऱ्यांक, खास मित्रांक आनी नव्या सैऱ्यांक आपवणें, साडो, मांयचें कापाड आनी करियमणी काडुंक!!

दोन दीस काजाराच्या दोतोर्नेक!

विगारांक मेळवंक आनी सुटावें कुम्सार!!

DJ क आनी बेंडागारांक मेळवंक!!

एका सांजेर इषटांक 'बेचोलर पार्टी'!!

मधें एका दिसा रेन्निचो बर्थडे आनी एक दीस क्रिस्मस!!

खरार!! रोस आनी काजार!! रेन्निची पट्टी लांब आसल्ली!!

तारिके प्रकार योजन मांडूक रेन्नीन कळयिल्लें. भोव वर्ते म्हिनतेन दोन वोरांनी मांडवळ तयार जाल्ली. कितेंच काडचे बरीं नातल्लें. कुडसुंक थंयसर अवकास भोव उणो आसल्लो.

भोव कषटांनी दोन दीस खाली दवरल्ले.

खासगी कामाक आनी नतालिया खातीर!!

नतालिया गोम्स!!

ताच्या फिर्गजेंत लोका मोगाळ नांव. यूव संघांत मुखेली! खेळा पंद्याव्यांत उकल्लोलो हात.

दोतोर्निच्या भूगऱ्यांक टीचर!!

आयताराच्या कोयेरांत तशेंच वाचपां वाचुंक चुकानातल्लो पात्र!

लितुर्जीक कामानीं काऱ्याळ सांदो!

विनोद हाचें सार्कें विरोध म्हळ्ळेबरीं.

“तुज्या कानांक धर्न वोडन मिसाक वोर्तागी नां पळे” म्हण रेन्नीन नतालिया विशीं तमाषे केल्ले.

“ताच्या पायांक उमकाळोन तरी सर्गाक वेतां” म्हण विनोदान सबार पावटीं सांगल्लें.

एका दिसाची पुणी सांगातां रेतीर करुंक जाय. शांती नगरांतल्या रेतीर मंदिरांतल्या पादऱ्याबाची शिकवन भोव अर्थभरीत जावनासा. काजारी जिणियेच्या नव्या पांवड्यार मेट दवर्ताना जिण्येचेर नियाळ कर्चो गर्जेचो जावनासा म्हण नतालियान समजायिल्लें.

दीस भर बसोंक कषटाचें म्हण विनोदान ना खुशी दाखयिल्ली.

काजाराक अपवण्याची पट्टी तयार जाताली.

दिसान दीस नवां चडोनंच वेतालीं. पाटल्या लगभग २८ वर्सानीं जायतो लोक ताच्या जिण्येंत आयिल्लो तरी हऱ्येकल्यांचो उगडास दवर्चें कषटांचें जाल्लें.

रेन्निच्या काजारा वेळार थोड्या लागशिल्ल्या मनश्यांक आपवणें मेळवंक नातल्लें. असली चूक ह्या पावटीं जांवचें विनोदाक बिल्कूल पसंद नातल्लें.

विवीध मूलां थावन कोलेजिच्या मित्रांचो संपर्क जमो केल्लो. ह्या खातीर सामाजीक माध्यमांचो मोटो वांटो आसल्लो.

“हाय”

वाटसपार नवो संदेश उदेल्लो.

‘दिशा शेट्टी’ आतुरीत जावन विनोदान ‘हाय’ म्हण जवाब धाडली. आदल्या दिसा धाडल्लें आपवणें पावीत जाल्लें. ‘दिशा रक्षिता शेट्टी’!!

कोलेजिचो पर्नो उगडास जिवो जावंक लागलो. भोव कषटांनी ताणें ताचेर धांकण धांपल्लें.

त्या दिसांनीं...

विनोद आनी दिशा सांगातां ब्याडमिंटन खेळतालीं. खेळतानां दिसाच्या मोच्यांचे नाडे सूटल्ल्या तवळ विनोद अधऱ्या दिंबियानीं दिशाचो पांय आपल्या दोंपरार दवर्न ताच्या मोच्यांचे नाडे अर्नितालो. तवळ ताचो हुनोनीं उस्वास दिसाच्या पायांक ऊब दिताली. तर ताच्या घामाचो पर्मळ विनोदाच्या नाकांक उल्लास दितालो.

सबार पावटीं बैकार बसोवन घरा पायताना दिसाचीं वोंठां विनोदाच्या गोमटेक स्पर्श जातालीं. सुर्वेर पाटीर दवरल्लो हात फोंडकुल्या रसत्यानीं चमकताना दिशाचे हात विनोदाच्या पोटा भोंवती रेवोड घाल्ताले. खेळाच्या कोर्टांत जीन्स शोट्सच्या पाटल्यान थावन दुदा सार्के धवे पांयां पट्टे विनोदाचें गमन खेळा थावन पयस व्हर्ताले.

गोऱ्याच्च कातिच्या गोमट्या थावन झरिबरीं देंवच्या त्या नितळ घामाचो व्हाळो हधऱ्या तेवशीं देंवोन आपली वाट करून वेताना ताचो पाटलाव कऱ्यांशें ताच्या दोळ्यांक भोग्तालें. एका उत्रान सांगचें तर विनोद चिंतिनासताना मोगार पडल्लो. दिशाच्या सोभीत सुंदर कुडी थंय!!

दिशाचे आकर्शीक दोळे ‘हांव केदाळा थावन तयार आसां’ म्हण ताका हिशारो कर्ताले!!

पूण विनोदाक अडचण आसल्ली!!

विनोद आनी दिशा एका प्रायेचीं जाल्ल्यान एकामेकाच्या एकवटाची वाट भोव लांब आसल्ली.

पार्की जातिच्या चलियेक स्वीकार करुंक विनोदाची आवय केदिंच तयार नां म्हण ताका कळीत आसल्लें!!

आनी अशें तो निश्चीत दीस मुकार उबो जाल्लो.

मोडेलिंगांत आसक्त आसल्ल्या दिशान बेंगळूराची वाट धरल्ली. आनी विनोद बोंबाय आनी मुकार गलघाक!!

चिंत्पा सागोरा थावन भात्र आयिल्ल्या विनोदान दिशाच्या मुकल्या संदेशाक राकोन रावलो. *Typing...* म्हणोन पळेवंक अत्रेगलो तो.

तो निराशी जालो नां!!

आदल्या दिसाच्या पार्टेंतलें अमाल अजून ताच्या रग्तांत धांवोन आसल्लें. आनी तें सबार तेंपा उपरांत संपर्क जाल्ल्या एका काळार अशेल्ल्या मोगा सवें चडीत सळावळ आशेलें.

दिशान आपल्या मोडेलिंगाचे सबार फोटो धाडल्ले. विवीध भंगेन! विविंगड आट नेटानीं! आनी थोड्यो दादल्यांक उद्रेक कचऱ्या तसल्यो!!

२३:०० मिनुटां ताणीं एदोळच्च *Chatting* केल्लें... दिशान काजाराचे अभिनंदन कर्चे सवें विंगड पार्टी विचारल्ली. आनी अशें बेंगळूराक अपवणें दिल्लें.

आहवान थोड्या अर्थाचो जावनासलो.

बेंगळूर येंवचें व्हड नहीं रांवचें खंयसर? विनोदान इरादो निघंट करुंक प्रयत्न केलें.

'म्हजे संगीं, म्हज्या प्लेटांत म्हजे विणें धोसतालीं. तुका कोणंच नांत' दिशान '*Smily*' धाडलो.

'सेटिंग!?' विनोदान पाटीं '*Smily*' धाडलो.

'म्हळ्ळ्यार!?' दिशान प्रश्नार्थक संकेत केलो.

"एका चल्यान अन्येका चलियेसंगीं एक्सुरायेंत एका अयिन्न कारणा खातीर मेळचें" विनोदान विवर्सिलें.

"*OK. I mean dating*" समजालें. आनी '*OK*' म्हणोन दिशान जवाब धाडल्ली.

Dec 22 तारीक साकाळीं ०८:०० वोरार 'सेटिंग'! विनोदाच्या उत्रांक जायत म्हळ्ळें बरीं '*Thumps up*' संकेत दिशा थावन उदेलो.

काजाराच्या कामाच्या पट्टेर अन्येक कुडसुंक पडलें. मेजा वयल्या पट्टेर *Dec 22* तारिकेर खाली दवरल्ल्या जाग्यार 'सेटिंग' म्हण दांबून बरयलें विनोदान. नतालिया संगीं भायर वचोंक दीस नातल्लो. नतालियान व्हडा खुशेन 'प्लान' करून दवरल्लें!! विनोदाक वेळ नातल्लो!

पास पोर्टाच्या तूर्त कारणाक बेंगळूरवेचें गर्जेचें म्हण विनोदान घर्च्यांक तशेंच

नतालियाक कळयिल्लें. पासपोर्टाचें काम विनोदा संगीं वेळ खर्चुंच्याकी गर्जेचें म्हण नतालियाक समजणी आसल्ली.

एकामेकाक समजोंक तशेंच पार्क, सिनेमा आनी ऐसक्रीमाक अमानत दवरल्लो दीस दिशान केदाळा चोरल्लो तें नतालियाक कळवंकच्च नातल्लें.

'All the best happy Journey' अदल्या सांजेर काजाराच्या दोतोर्नी उपरांत नतालियान विनोदाक बेंगळूर्च्या पयणाक बरें मागलें.

विनोदाविणें वेळ पाशार कर्चें नतालियाक कषटांचें जाल्लें.

शांती नगर रेतीर मंदिरांत एका दिसाची रेतीर हऱ्येका ब्रेसतारा आसा केल्ली. पादऱ्याब एक बरो प्रसंगगार जाल्ल्यान सुत्तुरांत भोव लोका मोगाळ जाल्ली. जायत्यांक बरेपण जाल्लें आयकोंक मेळतालें. नतालियान वेची मांडवळ केली.

'म्हजें काम बऱ्यान जावंक माग' विनोदान मुकल्या वोकले मुखार मुगदपणाचो वेस पांगुरलो. ''खंडीत जावन'' तशेंच साकाळीं ०८:०० थावन सांजेर ०५:०० वोरां पऱ्यांत फोना मुखांत्र या वाट्यापार धोसचें प्रयत्न करिनाका. फोन उप्योग करुंक अडवारलां. आनी तुजे तसल्या देंवचाराच्या नाडनेक थंयसर जागो नां''. नतालियान विनोदाचीं खेळकुळां करून पोल्याचेर कीस दीवन अदेवस मागलो.

डिसेंबर २२, २०१६, ब्रेसतार – 'सेटिंग'

रात नम्यारल्ल्या दिसाच्या सकाळिंक राकोन आसल्ली. बस्स बेंगळूरच्या वाटेर वाऱ्याक चीर्न म्हळ्ळेंपरीं धांवतालें.

डिसेंबराचें थंड वारें दाट जाकेटी वर्वीं या पोटांत देंवयिल्ल्या विसकेन पऱ्यांत ऊब दीवंक सोडलेंनां. फकत्त दिशाच्या बावळ्यांची ऊब ताच्या वेंगेंतलो उजो उद्वेगाच्या हून स्वास विनोदाचीं लवां उबी करुंक सकलीं. कुडिच्या सुखाचीं चिंत्नांनी ताका उद्रेकीत केलो. ती रात नां फकत्त ताका नीद दीवंक सकलिनां. तेवशिल्ल्यान दिशाक पऱ्यांत जागी दवरली.

'हाय' दिशा *Online* आसल्लें.

'राकोन आसां तुका' दिशान संदेश धाडल्लो.

'सेटिंग' आनी थोडिंच वोरां बाकी. विनोद आतुरीत जाल्लो.

'*O Smily* ' सवें संभाषण संपलें.

22nd Dec २०१६ वोरां मध्यानेचीं *00:47 hrs!!* विसकेचें अमाल अजून पुर्ते देंवोंक नातल्लें. नीद विनोदाच्या लागशिल्ल्यान पऱ्यांत पाशार जाली नां! सुशेग आशेंवच्या मतीक एकाच्छाणे उदेल्ल्या चिंत्यानीं रेवोड गालुंक प्रारंभ केलें.

घडियेंच दिशाचें पिंतूर काळोकांत नपंयच जावन एक उज्वाड पयस थावन उदेवन मती पड्ड्यार खंचलो!!

नतालिया!!

कोशेड्ड जागें जालें!!

कसली चूक हांव करून आसां?

क्षणीक सुखाक कितलें महत्व दितां!?

जिणी भर सांगाता दिंवच्या नतालिया संगीं खर्चुंच्या त्या अमोलीक वेळाक पाट करून अनैतीक संबंध जोडतां!?

त्या शीतल वाऱ्यांत पऱ्यांत विनोदाच्या कपालार घामाचे थेंबे उदेले.

फटिंच्या बुन्यादेर काजारी जिवीत बांधुंक हांव प्रयत्न कर्न आसां?

विनोदाचें कोशेङ्ग जागें जाल्लें.

मनांतलीं चिंत्नां कुडिच्या असकत्कायेक पाटिंबो दिताली तर एक बळाधीक आंतरीक ताळो निरंतर झज मांडतालो.

अदृश्य सकत अडकळ हाडताली तर रगता मासाची कूड वाटो करून मुकार वेचें प्रयत्न कर्ताली. बेंगळूर्ची वाट लगबग अर्थी सांपल्ली!

कुडिच्यो गर्जो तिर्सुंक बस्स रावल्लें!!

दिशा रक्षिता शेट्टी आनी नतालिया गोम्स!

मुकार या पाटीं!?

बेंगळूर थावन मंगळुराक पाटीं येंवचीं बस्सां त्याच्च जाग्यार रावतालीं!

नां!! हें म्हज्यान साध्य नां!!

विनोदान निचेव केल्लो!!

घोड्यार थावन सकला शेवटाल्ल्या सावलाची परिस्थिती ताची जाल्ली.

पर्तवणी!!

तो पाटीं येवंक आशेलो.

जिणिभर भितरल्या कांतवणेक भिंयेलो तो!

ताचें राजांव सार्कें जावनासल्लें.

जें कितें सार्कें दिसाना तें करुंक नाका आसल्लें.

बस्सार थावन सकयला देंवल्ल्या विनोदाच्या हातीं दिशा खातीर घेतल्लीं *Gift* आसल्लीं! मोलाधीक वसतू ते.

'*Tissot*' स्त्रीयांचें वोच. '*Gucci*' मोलाधीक पर्फूम आनी मेकप सेट!!

सर्व ताणें लागशिल्ल्या कचऱ्या डब्ब्यांत देंवयलें!!

जें कोणा खातीर घेतल्लें तें तांका फावो जावना तर ताका कितेंच मोल नातल्लें.

नतालियाच्या अंगार तें सोभवन दिशाचो उगडास जिमो दवरुंक तो तयार नातल्लो.

नतालियाच्या कुडिंत दिशाक सोदचें ताका नाका आसल्लें!! तशेंच त्यो हेरांक दीवन दिशाक हेरां बराबर करुंक ताच्यान पुटवलें नां.

'म्हाका माफ कर दिशा. म्हजे वर्वीं हें साध्य नां' पाटीं मंगळुर्च्या बस्सार चडताना पुस्पुसलो तो. बस्सान मंगळूर तेवशीं वेग आरायताना विनोदाचें बराधीक काळीज हाळू

जालें.

तो संतोसान भरल्लो!!

तो हळू जालो. ताचें वोजें मेकळें जाल्लें.

आनी ह्या संतोसांत तो दुस्रें कितेंच आशेलो नां. फकत्त नतालियाक सरप्रैस दिंवचें सोडन!

२२ डिसेंबर २०१६, सकाळिंचीं ०६:४३ जाल्लीं...

मंगळूरांत देंवल्ल्या विनोदान शांतिनगर रेतीर मंदिराची वाट धरली.

आनी तो साकऱ्या वेळार पावल्लो...

लगभग हजारा लागीं लोक विवीध गर्जां खातीर मागण्यांत जमल्लो. तांचे मधें नतालियाक सोदचें खातीर दोळे भोंवडायले तरी तो अम्सरलो नां.

आल्तारी वयल्य खुर्साच्या तकलेर मंद दिव्या पंदा अधऱ्या वृत्ताकाराचेर 'हांव तानेलां' म्हण बरयिल्लें. लायिकाची शिकवण मुगदाल्ली...

काफी फ्हळाराच्या वेळार नतालियाक सोधलें! मेळ्ळें नां. दनपारां जेवणाच्या वेळारी झळक मेळ्ळी नां...

०५:१३ वोरार रेतीर संपल्ली...

दिसाच्या वेळार नतलियाच्या मोबायलाक संपर्क केल्ले तवळ बंध आसा म्हण संदेश येतालो.

नतालियाच्या मम्मीक फोन केल्ल्या वेळार शांतिनगर रेतिरेक गेल्लें खचीत केल्लें.

लोकानीं रसत्याक देंवचे आदीं विनोद गेटी थावन भायर पडल्लो.

मुखार आसल्ल्या बस स्टोपांत नतालियाक राकोन रावलो. १५ मिनुटांनी सर्व लोक आपली वाट धरून गेल्लो तरी नतालिया दिसलें नां. विनोद एक्सुरोच्च उरलो.

नतालियाचो फोन चालू जाल्लो.

हाय नतालिया खंय आसाय तूं? विनोद संपूर्ण गाबरेवन गेल्लो.

हाय विनोद तुजें काम जालेंगी? केदाळा पार्टी येताय?

खंय आसाय तूं!? विनोदान जवाबी बदलाक पतऱ्यान विचारलें.

"रेतिरे थावन घरा वेते आसां. आतां रेतीर मंदिराच्या गेटी मुकल्या बस स्टोपांत आसां." नतालियाची जवाब आयकोन विनोदान भोंवतणी पळेलें. एक्सुरो सोडल्यार थंयसर कोणच्च नातल्लीं.

"खंयसर?" विनोदान अज्यापान पतऱ्यान तेंच सवाल. नतालियाची परत तिच्च जवाब!!!

विनोद, हांगासर *LIC*चो एक व्हड बोर्ड आसा. तांतल्या मोडेलाक पळेताना तुजोच्च उगडास येता. पळेंवक तुजे बरिंच आसा. ताचे सकयल अशें बरयलां. 'जिंदगी के साथ बी. जिंदगी के बाद बी'. तेवशीन थावन विनोदाक नतालियाचो मधूर ताळो आयकातालो.

दोन मेटां भायर येवन ताणें जयत बोर्डाचेर नदर मारली.

ह्या विशीं नतालियान सत उचारल्लें.

पूण ताचे मुळीं आसां म्हण फट सांगल्लें. विनोदाचो दुबाव बळ जालो!!

'नतालिया, एक सेलफी काडून धाड' सार्को तीर मारलो ताणें.

'*Oh No*' म्हजो मोबायला ब्याट्री काबार जाली.

घडियेंच नतालियाचो फोन बंध जालो!

विनोद विज्मीत जावन १५ मिनुटां थंयसर बसलो.

घडियेंच नतालियाचो मोबायल *ON* जालो.

Online घडियेंच *Offline*...

जिवे जिवे फटीं! नतालिया अपालिपा खेळतालें. फकत्त मोबायलार मात्र नहीं विनोदाच्या जिण्ये संगीं. नतालिया रेतिरेच्या नांवार खंयसर गेलां?

पासपोर्टाच्या नांवार हावें बेंगळूर गेल्लेबरीं?

सेटिंग!? सेटिंग! सेटिंग!!

काळोक जावन येताना प्रकाशीत ट्यूब लायट मुळांत रेतीर मंदिराच्या दर्वाट्यार उबें केल्लें जयत जेजुचें पिंतूर हात उसवन उबें आसल्लें. ताचे वयर बरवन आसल्लें विनोदान वाचलें. 'अपयलें सबारांक पूण विंचलां थोड्यांकच्च' विनोदान पावलां काडलीं. खंयसर तो नेणा आसल्लो.

*** – ***

कांटो आनी फूल

म्हजे ते दोळे मुकल्या दोरग वोणतिचेर चर्ताले, म्हजी कूड सरळां पाटल्यान बंधीन जावनासल्ली, ते म्हजे रस्माळ केस कांट्याच्या बल्या बरी जावन पाटिचेर आक्रमण कच्या बरी दिसताले. म्हजें तें सोभीत मुखमळ आज निसतेज जावन बंधीत सरळां थावन भायर तिळतालें, कीराच्या फुडांत कीरान बोंच भायर तिळतालें. कीराच्या घुडांत कीरान बोंच भायर घाल्ल्याबरी. आनी तें म्हजे हात वालीन रुकाचो आस्रो, सोधल्ल्याबरी त्या सरळांचेर उमकाळताले. व्हय! आज हांव बंधेंतली मृग! जैलांतली बंधिवान! समाजेन बहिषकार घाल्ली स्त्री! मतिभृषट जाल्लें पिशें...

२२ वर्सां आदीं हांवें ह्या संसाराचेर जल्म घेतलो. आनी त्या उपरांत हांवें ह्या संसारांतलें कोडू–गोड अनुभवसिलें एका खेळा बरी आनी त्या खेळांत प्रामुख्य चार खोले आसल्ले. ते केदिंच विस्रोंक सकानातल्लें.

आट वर्सां प्रायेचेर म्हज्या आवयचें मरण! दुस्रें–म्हज्या बापायक आसल्ली ती क्यान्सराची पिडा! आनी ताचे संगीं ताची कषटांची चाक्री! तिस्रें–म्हज्या बापायचें बेब्देपण! क्रूरता–असह्य वातावरण!

आनी आखरेचें तें म्हजें जीवन संसारीक वोडन्यां तेवशीं मालवाल्लें स्वतंत्रपण!

हे जावनासल्ले खोले म्हज्या जिणियेच्या खेळाचे! व्हय हें जावनासल्लें जुगार आनी ह्या जुगारेंत हांवे जिकाजाय आसल्लें. पूण ह्या चार अनिषट खोल्यां थंय हावें जिकोंक साध्य नातल्लें! आनी त्या खातीर हांव खेळतालीं जयताच्या वाटेर... आनी हें जयत मेळात तर म्हाका फकत्त एक निर्मळ जिवीत! नहीं तर दुःखाचें येमकोंड! हो खेळ खेळाजाय जाल्लो समाजे विरोध! म्हज्य जल्मदातारा विरोध! आनी स्वताच्या कोशेड्डा विरोध! फकत एक निर्भागी–अबल स्त्री जावन!

म्हजो बापय जावनसल्लो एक क्रूर कांटो, खंच्या घडिये म्हज्या मांयन ह्या संसाराक आदेवन मागलो, त्या वेळार प्रारंभ जालीं म्हज्या आनाच्या पोटांत क्यान्सराचीं मुळां उदेवंक, आनी इतलो समाधानी मनीस तो जावनासल्लो, पूण आतां मतिंत उचांबळ जालो. देदेस्पार जालो, आनी त्या वेळार रात आनी दीस हांव चाक्री कर्तालीं. अखरेक ताका दूक सोसुंक तांकानासताना ताणे सोऱ्याचो आस्रो सोधलो! क्यान्सर म्हळ्ळ्या महान पिडेच्या पाळांक सोरो म्हळ्ळें विकाळ सार भर्साताना क्रोध म्हळ्ळ्या फळान जल्म घेतलो. मायन ह्या संसाराक सांडल्ल्या वर्वीं हांव ताच्या क्रोधाक उंडी जालीं.

दुडू जायतो आसल्यारी, हांवें रातीं १२ वोरां पऱ्यांत ताची चाक्री करिजाय आसल्लें, कारण नासताना हांवें मार खावंक पडताले. आनी म्हज्या पाटीर उदेल्ल्या त्या मारांच्या घायांक तेल रगडुंक कोणंच थंय नातल्ले. ताचे ते बेब्दे ईषट सदांच रातभर ह्या घरांत लोळताले. तांकां विचार्तलो नातल्लो! व्हय म्हजें बिडार सोऱ्याचो अड्डो जावनासल्लें, लडायेचें मैदान, आनी ह्या घरांत म्हज्या तसल्या एका स्त्रीयेन रावोंक साध्य नातल्लें. आनी त्या खातीर हांव चिंतालीं एकच्च हें घर सोडिजाय, नहीं तर ताका भायर घालिजाय! विचित्र ही मांडणी! त्या देवाचीं रचनां आज एकामेकाक विरोध! बापायक धूव आनी बापय धुवेक!

'खंय वेताय? आज तूं सोडन वेशी तर फाल्यां तुजें हें मोगाळ बिडार उर्चें ना, हें घर सोऱ्या खातीर अडव दवरिजय पडतेलें, कित्याक तूं पळेताय? त्य कांट्याकच तूं पयस कर, म्हणजे ताची खुनी कर आनी तवळ मुगदातेली ती करंदाय, अशें तुजें जिवीत सुफळ कर' म्हजें अंतसकर्न जागयतालें. आनी हाका जवाब जावन म्हजें असकत संयभ तिंच चिंलां आटयतालें–खुनियेचीं!

बापायची खून धुवे थावन!?

कठोर चिंलां!

आनी त्या खातीर हावें एक बरी घडी सोदिजय आसल्ली. आनी ती त्या नव्या वर्साची! जनेराची एक तारीक! ती रात...!

आनी तो ड्ड्यानी डी'मेल्लो! म्हजो नषटो ड्डाडी, ताणे आपल्या वळवळ्यांचो, सोऱ्याचो क्रोध वोतल्लो आपल्या धुवेचेर. क्रूर विकाळ जिवदाळ ती. लोकान ताका जायित्तें समजायिल्लें. ताच्या नडत्याक सर्व खेंडताले, थोडे ताका धमकिताले. ताणे आपल्या धुवेक कषटुंच्या विशीं सर्व लोक बोबाटतालो. आनी हें सर्व ताणें आपणालागिंच सवाल उडयलें. हाका परिहार आसल्लो एकच–ताणें सोऱ्याचो सांगात सोडून धुवेकडेन बऱ्यान चल्चें, आनी ह्या खातीर तो भोगसाणे मागोंक तयार आसल्लो.

नव्या वर्साचो दीस तो. क्रीसतांवांक महत्वाचो दीस. क्रिसतांवांनी त्या दिसा नवे निचेव कर्न त्या वर्सांत ते पाळुंक प्रयत्न कचऱ्या जायत्यांक एक सवय, आनी ड्यानी डिमेल्लो... म्हजो ड्डाडी.... ताणे निचेव केल्लो ह्या वर्साचो, तो जावनासल्लो सोऱ्याची सवय सोडन धुवे कडेन बऱ्यान चल्चो, आनी ह्या निचेवाक बुन्याद गालुंक ताणे बाकी दवरल्ली ती नव्या वर्साची रात...!

आनी ती रात उदेली! जनेराची एक तारीक!

हो दीस जावनासल्लो आमच्या दोगां मधलो विशिषट दिवस! दोन रचनांची दोन कामां जावंक आसल्लीं एकाच घडिये, एकाच घरांत! त्या दिसा बापय धुवे कडेन भोगसाणे मागच्यार आसल्लो आनी धूव बापायच्या खुनियेच्या मांडावळीर... विचित्र देवाचें निर्मोणें...

आनी तो दीस बुडलो! अबळे ती घडी लागीं जाली...

आतां हावें एका कांट्याक पयस करुंक आसल्लें! दिनचरी प्रकार हांव ड्डाडिसक दूद वर्न मेजार दवर्तालीं, आनी त्या दीस हांव विकाळ दूदाचो ग्लास घेवन त्या कुडांत प्रवेश जालीं. त्या वेळार म्हज्या काळजची उडी धोल बडयल्या बरी उडताली! आनी त्या समये म्हज्य पायांचो आवाज म्हज्या कट्टळ्ळेल्या शिंतिदाक भालियेन तोपल्ल्या बरी भोग्तालें. म्हजी लांब पांती थंदायेच्या पाटीर ऊब स्पर्श दिताली. त्या ग्लासांतलें विकाळ दूद म्हाका पळेवन हासतालें.

आनी हांव ग्लास दवर्न भायर आयलीं यांत्रीक थरान, थोड्या वेळान अर्धो ग्लास खाली जावन मेजार दवर्ताना जाल्लो तो आवाज म्हज्या कानांतल्यान पाशार जालो. हांवें चिंतलें अर्धें वीक अनकिटेंत चरलें म्हण... आनी त्या वेळार म्हाका आपयलो आवाज जालो आनी हांव दड्ड्या काळजान चमकालीं, भिंयच्या नद्रेन... आनी त्या वेळार ताणें प्रारंभ केलें– "पुता, हांवें तुका मसत कषट–दगदोवणी दिल्या जावंक पुरो. पूण आनी मुकार हांव तुका

कितेंच कर्चो नां. कित्याक, आज थावन हांव सोऱ्याचो सांगात सोडन पाड इषटागती थावन पयस रावतोलों. हांवें केल्ल्या म्हज्या चुकीक म्हाका भोगशी'' म्हणोन तो म्हज्या हाताक धर्न रडलो!

कितें भगलें ना तवळ म्हाका? ''हाय देवा! हावें चिंतल्लें कितें? आनी आतां जालां कितें? हावें त्या कांट्याक काडुंक प्रयत्न केलें! आनी तुवें तोच कांटो फूल केलेंय!' हावें उमाळोन येंवच्या दुःखा भरीत चिंत्नांक दांबून धरुंक प्रयत्न केलें. पूण म्हजे वोंट कांप्ताले, दोळ्यांनी दुःखां निरंतर देंवतालीं! पतऱ्यान हांवें त्या विकाळ ग्लासा तेवशीं चोयलें त्या निसतेज दोळ्यांनी. तो ग्लास एदोळच्च अर्धो खाली जाल्लो. तें कूड गुंवता तशें भास जालें म्हाका तो प्रकासभरीत उज्वाड मंद जाते आयिल्लो.

''ह्याडी तें दूद... तूं... मुखार्सुंक म्हज्यान जालें ना, हांव धर्नीर कोसाळताना लागिंच एका कदेलार पर्तालीं, आनी तो उलयत वेतालो.... 'म्हज्या जिवांत आटेविटे भग्तात पुता, आनी चड तेंप हांव वांचाना. म्हज्या जिवांत कितेंगी बदलावण जाल्या. म्हाका कितेंय जाल्यार तूं बेजाराय करिनाका. तूं सुखान जिये...' म्हण ताणें पतऱ्यान अर्धो ग्लास खाली केलो. म्हजे कान आयकाताले ताचीं उत्रां. पूण म्हजी मत एदोळच चूकल्ली... आनी कितलो वेळ पाशार जाला तें हांव नेणां.

म्हाका जाग जाताना–बापायची कूड धर्नीर विशेव घेताली... अत्मो ऊबल्लो! आनी तो विकाळ ग्लास मेजार थावन पडोन चूरान चूर जाल्लो! आनी तें विकाळ दूद थेंब्या रुपीं धर्णीर पडल्लें. तें म्हाका पळेवन हासतालें. कित्याक ताणें आपलें कर्तव्य पाळल्लें. आनी तो ग्लास..... सदां उपयोगसुंच्या धन्याच्या मर्णांत आपूण भागिदार म्हण दाखंवच्या खातीर फूटल्लो! चूर–चूर... एकाचे दोन... दोनांचे चार आनी चारांचे आट...

आनी... तो...

विकाळ कांटो जावनासल्लो! आनी तो कांटो काडुंक हावें आन्येक विकाळ कांटो रचल्लो! तोच तो शिंतऱ्याळो, खोटो, खुनियेचो.. आनी कांटो कांट्यानच काडिजाय म्हण आसताना... तोच कांटो फूल जालें आनी त्या फुलान कांट्याचेर जयत व्हेलें... आपल्या मर्णान!

आनी हांव... आज अपराधीण... खुनिगार्न.... आनी हीं चिंत्नां उदेताना म्हजी दीषट चर्ताली त्या मुकल्या दोरग वोणतिचेर....

*** – ***

(काणीक, १९८७)

तो वील...

रात ती अमासेची जावनासल्ली. गंभीर वातावरण, हांव म्हज्या रूमांत बसोन आसल्लों, पयल्या अंतसतेर तें रूम आसल्ल्यान त्या जनेलांतल्यान म्हजी दीषट सकयल्या रसत्याचेर चरली. म्हज्या तीक्ष्ण दिषटीक कितेंच झळकालेंना. रसत्यार वाहन संचार पातळ आसल्लो. अपरूप पाशार जांवच्या वाहनांचो उज्वाड जनेलाच्या वेंटिलेटरा थावन भितर रिग्तालो. त्या उज्वाडांत म्हज्या तोंडार फूटल्ले घामाचे थेंबे मोतियांबरी पर्जळताले... आपशेंच म्हजी दीषट हाता वयल्या वाचाचेर पडली. वरां रातिचीं १२:०३ जाल्लीं.

व्हय, एका हफ्त्या आदीं थावन हांव हांगाच बसोन चिंतालों. म्हाका दिसा आनी वरांचें गुमान नातल्लें. म्हज्या दोरग हातांनी तें पत्र आसल्लें. अनिषट वार्ता हाडन आयिल्लें, म्हज्या जिवितांत तुफान उटयिल्लें, आनी त्या तुफानाच्या ल्हारांनी हांव उप्येतालों, रात आनी दीस म्हळ्ळें गण्णे नासताना!

आनी पतऱ्यान हावें तें नांव वाचलें.

ग्रेशन कुवेल्लो– त्या पत्राच्या मुळांत बरवन आसल्लें. आनी हांव तें पत्र वाचुंक पडलों. तेराव्या पावटीं...

मानेसता,

तूं म्हज्या धुवे कडेन लग्न जावंक मुकार सरलाय. पूण कितें आसा तुजेकडेन? व्यापार उद्यम? या लाखांनी दुडू? ना! तुजेकडेन कितेंच ना. जावंक पुरो, तुजे थंय विद्या आसा, सोभाय आसा, बरे शेगूण आसात, पूण हाका आयच्या संसारांत मोल आसचें ना. पयशें जावनासात ह्या संसारांतली मोलाधीक वसत! सर्वा प्रास वर्ती. जर तर तुजेकडेन धन आसा, तूं खुनिगार तरी निरापराधी! तूं अज्ञानी तरी विज्ञानी! म्हणजे ह्या सर्व उत्रांचो उद्देश इतलोच की तूं बृहत ऐवजाचो धनी जाताना तुवें म्हज्या धुवेकडेन लग्न

जाव्येता. ना तर असाध्य, आनी तुजो निर्धार धा दिसांनी कळवंक जाय.

–ग्रेशन कुवेल्लो.

पतऱ्यान तें नांव वाचलें हावें तात्सारान!

व्हय! हांव आशेलों त्या चलियेक, कुवेल्लोची धूव! ही जावनासल्ली म्हज्या जिणियेची आशा! आनी ती पूर्ण करुंक हावें कसलोय त्याग करुंक तयार आसाजाय. कितल्या खुनियांक तरी मुकार सरोंक आसल्लें व्हय! एदोळच एक हफ्तो उतरल्लो.

आनी तीन दिसांनी हावें जवाब दीवंक जाय...

हांव पतऱ्यान भ्रमेंतलो जागो जालों. तें पत्र हावें म्हज्या बोल्सांत चेपलें. आनी बोल्सांतली सिग्रेट काडन तोंडाक खोववन दूसऱ्या तुदियेक लायटारांत उजो दिलो. आनी घडियेन ती धुंवर वोंकोंक लागली.

लाखांचें धन हावें फकत्त तीन दिसांनी जोडुंक जाय आसल्लें... 'हह... हह... हह...' म्हज्या तोंडार क्रूर हासो उदेल्यो जावंक पुरो हावें अशें हासचें पयल्या पावटीं!

जळोन येंवची सिग्रेट एशट्रेचा बुराकांत रिगयली. त्या बुराकांतल्यान बारीक धुंवर

भायर येतालो.

फ्रिज्जांतली बियरिची बोतल भायर काडन एका ग्लासांत बियर वोतली हांवें. ग्लास तोंडाक तेंक्ताना माधकपण तकलेक चडतालें... आनी बियर पोटाक देंवताली... म्हज्या मतिंत लीला आंटिच्या खुनियेचीं चिंत्रां व्हाळतालीं! व्हय! ल्हानपणार हांव अनाथ जावनासताना तिणे म्हाका घरा हाडन पोसल्लें, एका फेकटरिची म्हालकीण ती. पयशांच्या राशीर ती आसल्ली. पूण पयशांचो विबाड करिनासता ना दुबळ्या दाकल्यांक वांटताली. समाज सेवा कर्ताली. आनी तिणे म्हाका सर्व सवलताय दिल्ली. पूण पैशांची पिसाय लागानातल्ल्या बरीं सांबाळताली.

तिचे थावन पयशे घेवंक जाय तर बलात्कारान घेवंक जाय आसल्ले. म्हणजे तिची खुनी कर्न...!

भयानक म्हजें चिंताप!

'आवय साकऱ्या व्यक्तिची तूं खून कर्ताय? रसत्या वयलें तुका उटवन तुका तिचो पूत कर्न घेतला. असलो उपकार तूं विस्राताय? ती समाज सेवकी. समाजेक ती जाय! तुज्या स्वार्था खातीर दुबळ्या धाकल्यांचें काळीज रडयतात?' कोशेड्ड बोबाट मार्तालें.

'पिश्या, चिंताय कितें? ती समाज सेवकी. तिणे पयली तुजी सेवा करिजाय. तिका प्राय जाल्या. आयचे दीस तुजे जावनासात. जरतर तूं हो अवकास होगडायशी आनी तुका मेळचोना. जीणभर तूं रडतलोय!' माधक मत अशी सांगताली. ह्या निरंतर झुजा नंतर खरी जवाब दिली त्या पत्रान–

'जर तर तुजेकडेन धन आसा तूं खुनिगार तरी निरापराधी' ग्रेशन कुवेल्लोचीं उत्रां हावें पतऱ्यान वाचलीं. हीं उत्रां म्हाका उत्तेजन दीलागलीं. व्हय, हावें खून केल्यारी म्हजे पयशे म्हाका बचाव कर्तेले. हांव राया बरी जियेतलों. पाप! लीला आंटिचे पयशे तिकाच नीत दिंवचेनांत. कित्याक तवळ तें म्हज्या ताबेंत आसतेले.

म्हज्या जिवितांत पयल्या पावटीं हांवें शिंतऱ्याळी मांडावळ केल्ली. तशें जाल्ल्यान म्हजे थंय चडीत धयर नातल्लें. हांब खूब रडतालों. म्हज्या अदृषटाक! हांव केदिंच तयार नातल्लों तिची खून करुंक...! पूण विधीन म्हजेर दावली मारल्ली. आनी त्या खातीर हांव तयार कर्तालों.

आनी तो आटवो दीस... तें पत्र येवन आट दीस उतरल्ले आनी दोन दीस बाकी आसल्ले. आनी आज रातीं लीला अंटीक रातीं मिटिंगाक वचोंक आसल्लें. पाटीं येताना वोरां धा जातात म्हण म्हाका कळीत आसल्लें. हावें तेग जण गूंडांक फर्माण दिल्लें–तिची खुनी करुंक, ५० हजार रुपय हावें तांका भासायिल्ले, ५० हजार नहीं ५ लाख तरी पर्वा नातल्लीं. फाल्या थावन हांव करोड पती... कुवेल्लोच्या धुवेक नहीं ताच्या बापायक तरी मोलाक घेंवची सकत आसल्ली.

आनी ती रात जून जाली...

लीला आंटी घरा आयली ना...

हांव खूब रडलों– आदर्श स्त्रीयेच्या खुनिये थंय. हांवें नेमक केल्ल्या गुंडांनी तांचें काम पाळल्लें.

आनी दूसऱ्या दिसाचें दिसाळें पत्र हावें वाचलें. रोदां पंदा पडोन भेसां जाल्ली लीला आंटिची कूड तस्वीरेर अस्पषट थरान दिसताली 'लोरियें पंदा पडोन उद्यमी समाज सेवकी लीला-हिचें मरण' वार्ता हांवें वाचले.

हांव एदोळच्च भिर्मतेन कडोन गेल्लों. पूण त्या करोड रुप्यां थंय संतोस पावतालों!

आनी तिच्या मर्णा उपरांत तिचो वील कोडतिंत हाजर जालो!... तो वील! सर्व आसत बदीक त्या कागदा कुडक्यार आसल्ली. आनी ताच्या उग्तावणाक हांव राकोन रावलों. वील जावनासा ग्रेसतांची एका थराची व्हडविकाय. त्या वीलाची म्हाका गर्ज नातल्ली. कित्याक कितें तरी सर्व आसत माकाच्च म्हण कळीत आसल्लें. तिचो पती सबार वर्सां आदीं अंतरल्लो. तिका भुर्गीं नातल्लीं. सर्वाचो वारेसदार हांवच. मुन्सिपान वील वाचलो.

"म्हजी फेकटरी, तांतलो मुनाफो त्या कार्मिकांक, ह्या फुडें तेच ताचे कार्मीक आनी म्हालक. म्हज्या दुडवांतलो ५०% अनाथासऱ्यांक तर, ५०% कथोलीक आस्पतऱ्यांक आनी इसकोलांक. म्हज्या पोसक्या पुताक हें घर मात्र दितां. कित्याक तो शिकपी आनी आपलो दिस्पडतो ग्रास तो जोडतलो...."

मुन्सिफान एकच पावटीं वील वाचल्लो तरी तांतलीं उत्रां हजार पावटीं म्हज्या कानांनी प्रतिध्वनीत जातालीं! व्हय, आज हांव सलवाल्लों. हावें आशेल्ली चली म्हजे थावन पयस पावल्ली. हांव खुनिगार जाल्लों! हावें ५० हजार रुपय गूंडांक दीवंक बाकी आसल्ले. हीं सर्व चिंत्तां म्हज्या मतिंत उदेवन मायाग जालीं.

व्हय, म्हाका म्हज्या लीला आंटी थावन कितेंच मेळोंक नातल्लें. आनी म्हजी मत नियाळिलागली तो वील- म्हजें जिवीत पिड्ड्यार केल्लो!

*** – ***

(काणीक, १९८७)

डकायीत

रसत्याक चीर्न म्हळ्ळ्याबरी नियंत्रण भायल्या वेगान धांवच्या बायकाचो वेग क्रमेण उणो जावन येताना एक्सिलेटरा वयलो हात सदीळ जांवचे संगीं पांय ब्रेकिचेर दांबताना बैकान आपली धांवणी रावयिल्ली. त्या वेळार रातिचीं १२.५४ मिनुटां म्हळ्ळ्याबरी शहरा मधलें जयत टवर क्लोक दाखयतालें. पूण तें पळेवंक ह्या रातिच्या बरार एकल्या शिवाय दुस्रो थंय नातल्लो.

बायकार थावन देंवल्ल्या व्यक्तीन हळतार ताचे मुकल्या गेटिचेर नदर चरयली.

'सूख सांगर'

उत्रां वाचून व्यक्तीन बोल्साक हात खोवयलो. भायर थंड आसल्ल्यान बोल्सा भितरलो हात ऊब आसल्लो. बोल्सांतली रिवालवर हुक्मेक राक्ताली.

त्या अनामीक व्यक्तिची दीषट वाहनाच्या सायलेन्सरा थावन भायर येंवच्या धुंवराचेर आसल्ली. त्या धुंवराक पळेवन सिग्रेटिची वोडनी आयली ताका, सिग्रेटिच्या पोंताक उजो दीवन लायटर पालवयलो ताणे, लायटराचो धुंवर क्रमेण वाऱ्यार विलीन जालो, तशेंच वाहनाचोयी धुंवर अदृश्य जालो. वर्सां आदीं ताचें कोशेड्डुयी अशेंच 'खुनिगार खुनिगार' म्हण तीक्ष्ण रितीन धुंवर्तालें. पूण आतां तें क्षीण जावन वातावरणांत भर्सोन ताचो आवाज नपंयच जाल्लो.

डकायीत!

डकायीत तो जावनासल्लो. ताचो मार्गदर्शक जावनासल्लो रणधीर सिंग! रणधीर सिंग जन्मा थावनंच वृत्तिपर लुटकारांच्या कुटमांतलो तो, ताणें एका भूगऱ्याक चोर्न हाडल्लें, आनी आतां तो जावनासल्लो त्या पंगडाचो मुखी ताचें नीज नांव कितें, कोणी नेणां. पूण रणधीर सिंगान ताका 'जीवन' म्हळ्ळें नांव दवरल्लें.

रणधीर सिंग आपल्या दुस्मानांक केदिंच विस्रानातल्लो, आनी ताच्या खबरेक तरी कोणी वचानातल्ले, आनी ताच्या खबरेक तरी कोणी वचानातल्ले. पूण एका पोलीस आफिसराच्या धयराधीक साहसाक लागोन १० वर्सां ताणे जैलांत खर्चिल्लीं. तें ऋण फारीक वाडी समेत करुंक खुद्द ताच्या हाताचें त्राण उणें जाल्लें तरी ताचो तरूण हात जीवन आयतो आसल्लो.

जीवनान सिग्रेट चिंवोन पयस उडयली.

'सूख सागर' आज दुःखांत बुडयतलों. तोंडांतच पुस्पसलो तो. ताणे सबारांचे जीव काडल्ले. सबारांक सारिये विणें जळयिल्लें आनी सिमिसत्रे विणें पूरल्लें. थोड्यांचे हात-पांय, तशेंच जिवाचे सबार विश्वे मर्ता पऱ्यांत काम करुंक जायनातल्याबरी केल्ले.

भारीच धयराधीक तो जावनासल्लो. लोकेश ताका भियेतालो.

पूण आज ताणे एका निवृत्त पोलीस अधिकारिची आनी ताच्या पतिणेची खून करुंक आसल्ली. रणधीर सिंगान बाकी दवरल्ले मिसांव पूर्ण करुंक आसल्लें.

आज ताच्या जिवांत अव्यक्त शिर्शिरो धांवतालो.

आज ताचे हात कांप्ताले. ताचे थंय अव्यक्त भ्यें उबजाल्लें.

थाचे पांय गेटी भितर वचोंक नर्गाताले.

ह्या मूळ नातल्ल्या भियाचें कारण कितें? ह्या भियाचीं पाळां खंयसर थावन उदेल्यांत?

तो चिंतालो. एका हफ्त्या आदल्या ताच्या आनी रणधीर सिंगा मधल्या उलवण्याचो उगडास आयलो ताका....

"जीवन, तुजे थावन लिपयिल्लें एक सत सांगों?"

"सांग बोस"

"सत सांगचें तर तुका हावें चोर्न हाडल्लो, म्हणजे एका आवय बापाय मुकार बलत्कारान वोडन हाडल्लो, आनी तुका हावें लुटकार केलो".

"आनी हांव डकायीत जालों!" व्हडल्यान हासलो. तशेंच मुंदर्सिलें ताणें–

"तुवें आज म्हाका व्हड उपकार केलोय बोस. हांव आतां व्हड मनीस जालों. लाखांनी दुडू थोड्याच वेळान जोडच्या तसलें यंत्र जावंक पावलों. आज संसार म्हाका वळकोंक सकलो. पोलीस म्हज्या नांवांक उडोन पडच्या स्थितेक पावले. तुका हांव अभारी बोस, जीवनाच्या उत्रांची धार समजोंक सकलोना म्हातारो रणधीर".

"पूण जीवन, हें केदोळ पऱ्यांत? तुज्या जिवाची भद्रती कसली?"

"मर्णा पऱ्यांत बोस. डकायितांक तांच्या जिवाची भद्रती आसाना".

"जीवन हें फट जावनासा. हें क्षणीक जावनासा. म्हजे दोळे तुज्या दोळ्यांक मेळवंक सकाना हांव. हांव पात्की, क्रूरी. पूण म्हजें मनशापण तुजे विशीं नियाळतां. 'जीवनाक बरी वाट दाखय. ताका एक बरो नाकरीक कर. ताची जिणी सार्थक जायशें कर' म्हण एक ताळो म्हाका अव्यक्तपणी धोसता, आनी ह्या कठीण दावेन हांव लासतां. जीवन, तुवें बरो नागरीक..."

"बरो नागरीक!?" जीवनान अधऱ्यार उत्रां तुटयिल्लीं.

"तो पोलीस, तो लोक नागरीक, आमी अनागरीक विचित्र! ताणिंच तांकां दिल्लो कुरोव तो, आमचे तसल्यांक धरुंक, नास करुंक धयर नातल्ले जावनासात ते. तसल्यांचेर हांव थुक्तां... हऱ्येकल्याक आपलीच वृत्ती आसता. पोलिसांक चोरांक धर्ची तर, लुटकारांक लुटची, अन्येकल्याक ताचीच! अशें आसतां जें कितें हांव कर्तां, तें म्हजे आनी तुजे...."

"बंध कर जीवन!...."

"ना, तूं बरो जातलोय, आनी हांव मर्च्या पयलें हें तुज्या कर्ना करयतलों, तूं धनाक आशेताय? तुका पयशे जाय? आनी त्या पयशां खातीर बायलेक, घोव, भूगऱ्यांक, बापय, आवयक, पूत सासणाक ना कर्ताय? तर आयक. घे ही चावी. पोर्वा सन्वारा रातीं ड्रै॥ नामदेवाची खून कर. आनी उपरांत म्हज्या तिजोरेंतलो दुडू तुजे स्वाधीन कर, पूण एक उतार उगडास दवर जीवन, लुटकारांची वाट कितली लांब जावनासागी तितलीच मटवियी जावनासा" तितल्यार जीवनान मौन सांबाळल्लें.

जीवन आपल्या वृत्तेंत स्थीर जाल्लो.

आपल्या निचेवाक तो केदिंच बदलुंक तयार नातल्लो.

'टैं...'

टवर क्लोकान रातिच्या एका वोराचें संकेत व्हाजयताना चिंता सागोरांतलो तो जागो जालो.

गेटिच्या कुंद्यार आसल्ल्या 'नामदेव, पोलीस अधिकार' म्हळ्ळ्या फलकाचेर तिरासकारान थुकलें ताणे,

गेट उडोन भितर रिगलो तो.

ताका आडवंक कोणी थंयसर नातल्ले.

आसल्लो तर एक अलशेशियन पेटो मात्र.

ताच्या पोटांतगी या फात्रा साकऱ्या तकलेंत गी पिसतूलेंतलो हुनोनी गुळो रीगल्लो. धोवी लोंव एदोळच्च तांबड्या वर्णाक बदलल्ली जायजाय.

थोड्या वेळा उपरांत...

जीवन बेड रूमांत उबो आसल्लो!

त्या रूमांत खाव्येर आसल्लीं दोगां प्रायेसतां निदेच्या वेंगेंत आसल्लीं.

काळेच मोचे, काळें पेंट आनी काळी जाकेट गालन, हातांत पिसतूल घेवन आसल्ली व्यक्ती खाव्ये सर्शीन येताली,

अंधकारी काळोकांत या मंद उज्वाडांत,

पूण! दोगां मनशांच्या मर्णाच्या सावळे पाटल्यान,

तीन फुटिंचो अंतर!

जीवना मधें आनी नामदेव दंपतीं मधें,

पिसतूले थावन हुनोनी रगताच्या शिरे भितर पांवच्याक आसच्या गुळ्यांची पयणाची वाट!

तो अंतर जावनासल्लो धोणवांत उसळच्या भालिये मधलो आनी शिकारे मधलो!

फकत्त तीन फुटी! चार गुळे बाकी ऊरल्ले! दोन गुळे पेट्याक खावयिल्ले!

जीवनाचो पोलो मिर्मिलो, दोळे अशीर जाले. दांत अडचाले आनी पांय कांपोंक सुरू जाले! मोच्यां भितरलो पांय हळतार खोर्जुंक लागलो. भिंयान या सलवणेन!

एक क्षण!

मंद उज्वाडांत प्रशांत कुडिंक जाग जाली! तांचे मुखार एक यमदूत उबो आसल्लो. पिसतूल उजो वोंत्ताली, आनी गुळे उसळताले. रगात धर्णीर व्हाळताले.

दोदोन गुळे एकेकल्याच्या अनकिटेंत या पोटांत रोंबल्ले.

ताणे जीव सोडल्लो!

जीवनाक हें सदांचें तरी आज तो अव्यक्त आकांताक वळग जाल्लो. ताच्या पांयां थळा ताच्या बोसाचीं दुस्मानां निदोन पडल्लीं. पूण तो मतिंतल्या संघरषाक ओळग जालो.

ताच्या आंगांतलो घाम देंवोन रगतांत भर्साल्लो!

हजार दोरियांनी भांदल्ल्या बरी ताका भोग्तालें.

थंय थावन भायर येवंक तो सकलो ना.

"जीवन, हें पत्र तुका हांव दितां. तें महत्वाचें जावनासा, हांतूं सर्व विवर आसा. तुवें आज करुंक आसच्या कामा उपरांत त्याच जाग्यार तुवें तें वाचुंक जाय. तूं म्हज्या उत्राक पाळो दिताय. त्या खातीर हांव तुका पात्येतां. तुका जयत मेळों".

रणधीर सिंगाच्या उत्रांचो उगडास जालो ताका, हळू जाकेटिच्या बोल्साक हात घालो ताणे.

आनी पत्रा भायर काडन वाचुंक लागलो.

म्हज्या मोगाच्या जीवन,

भूगऱ्या, आज तूं पडलोय, पूण पडल्ल्या थंयच तूं रडचोनांय, उबो जावन सार्को रसतो धर्तलोय. तुजे मुखार आसात दोन निर्जीव कुडी, आनी त्या रगताच्या खोंडांत तूं उबो आसतलोय.

तुका कसलिंच भोगणा नांत नहिंगी?

आयक तीं जावनासात तुजीं जल्मदातां. ती तुजी आवय जावनासा. तिच्या हाता तुका बलत्कारान हाडल्लो. तूं तांच्या मोगा थावन वंचीत जावन आसोंक पुरो, पूण तें रगात तें तुज्या पांयां मुळीं मसताल्लें जावनासा तुजेंच!

आतां तुका सवाल धोसता नहिंगी, हावें अशें कित्याक केलें?

जवाब हांगासर आसा, संसार व्यवहार भरीत जावनासा. आनी चाल्त्या संसारांतल्या व्यवहाराचो तूं बरोच्च फायदो उटयताय, तुवें खुनी केलीय आनी ताचें देवें हांव फारीक कर्तलो, म्हज्या तिजोरेंत तुका दुडू धाराळ मेळतलो.

आवय बापायची खून!

कठोर सत नहिंगी जीवन? पूण त्या कठोर सता पाटल्यान एक कोडू काळीज आसा. आनी त्या काळजाक एक किड्या सार्की कांतवणी आसा. जावंक पुरो केल्ल्या चूकिची पश्चात्ताप! पूण तूं तितलो मोवाळ नहीं. क्रूरी मनजात तूं, आनी जीवघात! जीवघात करुंक तुज्या हातांतली पिसतूल एदोळच्च खाली जाल्या! तूं म्हजेर फारिकपण आशेवंक पुरो. पूण ह्या वेळार हांव जिवंत आसचोंना.

आन्येक सवाल तुका धोसुंक पुरो. बोसान अशें कित्याक करयलें?

जवाब दितां, चीत दीवन वाच–

नेणत्या भूगऱ्यांची मोळबाक पांवची बोब मेल्ल्या बापायक हाडवंक पावल्यारी तुका आयका ना. बायल, घोवाच्या मर्णावर्वी जीणभर रडतेली शिवाय, चुकोन केदिंक हासोंक पांवची ना, म्हातारीं आमचें मुखार 'पुतान संसार सांडलो' म्हण प्रशांत मोळबाक पळेवन दुःखां गळयतालीं. तांचे बांदपास तूं समजंचोनांय. तांचें दुःख तूं व्हाववंक थंयसर आसचोनांय. एका मनश्याच्या जिवा संगीं सगळ्या कुटमाक तूं जळयतोलोय उज्याविणें!!

आनी आज?

ह्या उज्यामधें हांवें आनी तुवें जळाजाय. आमचें तसल्या डकायितांनी जळाजाय. नांचीं दुःखां आमी गळयजाय. ही जावंक पावतेली तुज्या पर्तोवणेची वाट! आनी तूं बरो नागरीक जातलोय. लुटकारांची वाट कितली लांब जावनासागी तितलीच मटवी जावनासा.

– रणधीर सिंग

जीवन वाचतालो... त्या खोंडांत.... तीं मरोन पडल्लीं मां–बाप! निर्जीन मुखमळार विचित्र हासो आसल्लो!!

कुडांत आनिकी मंद उज्वाड आसल्लो.

संसार घुंवता'सो दिसतालो! आनी आखरेक सब्द जाल्लेपरीं पर्तालो तो मतिहीन जावन त्या रगताच्या खोंडांत!

ताची वाट बोव मटवी जावनासल्ली!

*** – ***

(काणीक, १९८८)

एक पयण....!

चिकार भरल्ल्या लोकाच्या गडदेंत हांव उबो आसल्लों. म्हजें मुखल्यान सबार वाहनां पाशार जातालीं.

एका पाटल्यान एक, एका मुकल्यान एक आनी एका वयर एक म्हळ्ळयाबरी.

आनी अशेंच मनश्याक मनीस आदाळताले. आनी म्हज्या पेंटाच्या बोल्सांतले पयशे आवाज कर्ताले. दोन पावल्यो आसल्ल्यो म्हज्या बोल्सांत, बोल्साक हात घालन सास्पोंक लागलों.

एक-एका रुप्याची, आन्येक-चार आण्यांची पावली!

रू. १-२५!

हांव कामा खातीर बोंबय आयिल्लों.

गांवच्या मातिये थावन पयस येताना म्हज्या मांयन म्हाका एक हजार रुपय दिल्लो, आनी आयच्या दिसाक फकत रू. १-२५ म्हजे लागीं ऊरल्लें.

चाळीस आनी तीन दिसांनी एका हजार रुप्याची मोड जाल्ली. हावें एका नौकरे खातीर कर्चीं प्रयत्नां सर्व निर्फळ जाल्लीं. लाखांनी लोकाक आस्रो दिंवच्या, हजारांनी लोकाची भूक थांबंवच्या बोंबयांत, वाणिज्य शास्त्रांत पदवीधर अनुभव जालो. संतोसान, मोगान आसल्ल्या ह्या कुटमांत आज विकाळ क्रूर पिडेन प्रवेश घेतल्लो-जेनाक डोना थावन पयस करुंक.

सबार तेंपाच्या पिडे नंतर जेन त्या एका विकाळ दिसा डोनाक आनी आपल्या नेंट्या बाळाक संसारीं सांडून मर्णा अधीन जालें.

हेणें डोन आनी तेणें विनू वेळा काळाक आनी घडितांक शिरापुंक लागलीं, तरी ताणीं देकल्लें स्वपाण फकत अधुरें जावन उरलें. जाल्ल्या म्हाका एक काम मेळोंक नातल्लें.

घड्ये भितर रैल गाडी येवन उबी जाली. आनी त्या लोका मधें हांव घुसलों. लोक इतलो भरल्लोकी म्हजे पांय धर्णीक स्पर्श जावन नातल्लें. हांव तांचे मधें चिडकाल्लों. सर्वांच्या घरषणांत हांव रैल गाडिये भितर पावल्लों.

आनी थंयसर सबार थराच्या लोकाचें मिलन जाल्लें.

आनी त्या सबारां मधें हांवयी एकलों जावनासल्लों.

आनी सदांच म्हजे विशीं चिंता कर्चो हांव आतां सबारां विशीं चिंतालों.

थोड्यांच्या तोंडार पुरासाणेची कळा आसल्ली. पाप बावडे ते कुटमां खातीर रात आनी दी लेकिनासताना घोळताले. आनी थोड्यांक एकामेकाचेर ना पात्येणी तर सबारांक आपल्या कामाक वचोंक आम्सोर.

थोडे जण प्रकृतिची सोभाय चाक्ताले. आनी ऊरल्ले चोरिये थावन चत्राय घेवंक प्रयत्न कर्ताले. सबारांच्या गुप्त बोल्सांनी पयशें सुरक्षीत आसल्ले. थोड्यांच्या बेफिकिराये वर्वीं पीक पोकेटवाल्यांचीं खाली बोल्सां दिसां दीस भर्तालीं. तर पयणाऱ्यांचीं भरल्लीं बोल्सां खाली जातालीं.

ल्हान हासो म्हज्या तोंडार उदेल्यो.

"पुता एक हजार रुपय आसात. जाग्रूत कर, पाटल्या बोल्सांत पयशे दवरिनाका. रसत्यार चल्ताना, बस्सांनी वेताना, रैलार पयण कर्ताना चोरां थावन फटवोन पडानाका" मांयन गांवा थावन येताना, बस्स चडताना सांगल्लीं उत्रां उगडासाक येतालीं.

आनी ह्या ४३ दिसांनी म्हजो एक हात बोल्सांतच आसतालो. पूण आज ताची गर्ज नातल्ली.

ट्रैन धांवतालें, आनी हांव चिंतालों... ट्रैनाच्या कर्कस आवाजाक म्हजी मत हुळवुळताली. आनी ती सांग्ताली– 'तुजी पोकेट भरोन आसाजाय' म्हण.

व्हय, म्हजी पोकेट भरोन आसाजाय!

कितें कर्चें? कशें?

थोड्यांच्या मुकल्या बोल्सांनी पयशे भायर तिळचे पळेवन म्हज्या तोंडांत लाळ गळताली. टिकेटी खातीर ताणी पयशे काडताना ते पळेवन 'ते पयशे म्हजे जाल्ले तर आनी थोडे दीस चिंतांविणे काढ्येत आसल्ले' म्हण भोग्तालें.

त्या ट्रेयनीर ह्या गडदेंत संपूर्ण मनीस दिसानातल्ले. सबार तकल्यो थंयसर दिसताल्यो. सबार हात विविंगड कामांनी मेतेर जाल्ले. सबार वसतू अधऱ्यो अधऱ्यो दिसताल्यो.

आनी सर्वा मधें दिसताली ती पयशांची पोकेट.

एका मनश्याच्या बोल्सा थावन अर्धी भायर तिळताली ती.

एका घड्येन, फळायेविणे, त्रासाविणे सबार दुडू जोडुंक आसल्लो आवकास! क्षणान, पूण चतुरायेन, अंतसकर्नाक विरोध वचोन करुंक आसचें अपायाचें काम.

ह्या व्यक्तिचें तोंड, जीव सार्को दिसानातल्ल्यो.

पूण ती पोकेट दिसताली. आनी त्या गडदेंत सबार पावटीं पोकेट म्हज्या हाताक लागल्ली.

म्हजीं चिंतां बळ जातालीं. मन घट जातालें. हात चतूर जावंक सुरू जाले. वेळ पाशार जातालो.

हाता मधें आनी पोकेटी मधें चड अंतर नातल्लो.

पूण....!?

मना आनी कोशेड्डा मधलो अंतर चड आसल्लो.

'चोर... चोर...!' सर्व लोक म्हाका बोट जोक्तात तशें दिसताले. सबारांच्या मारांक हांव बली जातां तशें भिरांत दिसताली.

"ना, आज हांवें ती पोकेट उसळायली तर दनपारां जेवतलों, ना तर पोटाक नासताना उपाशीं मर्तलों, ना, मरोंक हांव आशेनां, हावें जियेजाय, जियेजाय तर भीक मागाजाय, आनी भीक मागोंक एका भिवकूऱ्याबरी, एका आळशाबरी मन ना. म्हजे हात-पांय घट आसात, पूण काम करुंक काम मेळाना. पूण त्या मनश्याच्या पोकेटीक हात दीवंक, ती आपणावन म्हजे स्वाधीन करुंक म्हजें थंय त्राण आसा, अखंड धयर आसा. त्या पोकेटिंतल्या पयशां

वर्वी त्या मनशाक चड फरक पडचो ना. पूण हांव जियेवंक आसचो एकच अवकास हो, हां...., हांवें जियेजाय!'

एक घडी ती...

आतां पोकेट म्हज्या हाताक आयिल्ली. म्हज्या कामांत म्हाका जयत मेळल्लें. हांव जीकल्लों, म्हजें हें काम बहुशः कोणेंयी पळेवंक ना जावंक पुरो, त्या गडदेंत देवाकयी दिसोंक ना.

थोड्या वेळान रैल रावल्लें.

सबार लोक देंवोन आपल्या वाटेक लागल्लो, आनी तांचे मधें हांवी देंवोन मुकार वेतालों...

थोड्या वेळा नंतर म्हज्या मुकल्यान पाशार जांवच्या व्यक्तिचेर म्हजी दीषट चरली. पिंजकर पेंट तें. पर्नें एक शर्ट, हातांत कट्टींग प्लेयर घेवन तशेंच त्या काळ्या हाताच्या बोटां मधें स्पानर खेळयित्त वेच्या व्यक्तिचेर म्हजी दीषट चरली. ताका पळेवन करुणाय भोगली. गावांत आसताना असल्या कामेल्यांक सांगात्या संगीं इसकोलाच्या दोऱ्यार बसोन तमाषे कर्चो उगडास नाका म्हळ्यारी येतालो.

बहुशः त्या व्यक्तीक बिडी वोडची वोडणी आयली आसतेली, लागशिल्ल्या घुडा आंगडी भितर रिगोन बिडी विचार्न अंगडगारांक दीवंक पयशां खातीर पेंटाच्या बोल्साक सास्पोंक लागलो. म्हजी दीषट नाका म्हळ्यारी ताका पळेताली. आयच्या दिसा म्हजे आनी ताचे मधें विचित्र आकरषण आसल्लें, एकामेका मधें एक भांद आसा जाल्ल्याबरी भोग्तालें.

बोल्सांतल्या पोकेटीक सोधून ताचे हात आतां निर्फळ जाल्लें. थंयसर ती नातल्ली!

दुबळ्या घरा चोर रिगानांत म्हळ्ळें फट जाल्लें.

ताच्या पोकेटीक हांवें हात दिल्लो, आनी आतां पयस थावन हांव पळेतालों.

'छे! एका दुबळ्याच्या पोटार पांय दवर्न म्हजें पोट हांवें भरुंक पळेलें...'

एका घडिये नंतर...

एकाक दोन, दोनांक चार म्हळ्ळेबरी त्या व्यक्तिच्या भंवारीं सबार लोक जमल्लो.

आनी तांचे मधें तो बोबाटतालो!

"हावें कषटांनी जोडन आवयच्या वक्ता खातीर कमायिल्ले पन्नास रुपय चोरी जालेमू देवा" म्हळ्ळें अकृंदन तो जमो शिंदून म्हज्या कानांक आपटातालें.

"म्हजे तसल्याक धगो दिंवचें कठोर मन तांकां दिलेंयमू देवा..." काळीज फाप्सून येंवचो दुःखेसत आवाज म्हज्या हधऱ्याक भालियेन तोपल्लेबरी भास जातालो. त्या जम्यांत सबारांनी दाखंवची दया म्हजेर उळटी रावोन क्रोध दाखयिल्ल्याबरी दिसतालीं.

ताचें रडणें, ताची अवस्था, लोकाचेर विवीध परिणाम फांकयताली.

थोड्यांनी ताची भिर्मत चिंतली तर आनी थोडे ताका अन्याय केल्ल्याक शिरापुंक लागलें.

Language & Cultural Foundation Mangaluru

"अशें घडचें बोंबय तसल्या गावांत सदांचें जावनासा" सबारांच्या तोंडांनी येंवचीं उत्रां तर 'फटी सांगोन लोकाक फसवन पयशे कमांवची एक रीत ही'–थोड्याचें तीर्प.

म्हज्या कानाक अपटातालीं तीं लोकाचीं उत्रां दुस्मानांच्या गुळ्यां प्रास तीक्ष्ण जावनासल्लीं.

आतां म्हजें कान तीक्ष्ण जावन येताले.

म्हजें दोळे गयरे जाताले, म्हज्या तोंडांत उलवंक सकत नातल्ली. म्हजी मत कुंब् जाल्ली.

'ती पोकेट हांव ताका दितलों!

आनी मुखार हांव अशें कर्चोंना!

आन्येकल्याचें खाण वोडन हांव पोट भर्चोंना!'

क्षणान हांव ताच्या लागीं सरलों, म्हजें हात, म्हजें पांय थाऱ्यार नातल्ले, हांवें ताचे लागीं माफ मागाजाय. 'हावें केल्ल्या अन्याया थावन पयस धांवोन आनी मुखार अशें करुंक नजो' हांव चिंतालों, म्हजे पांय ताचे लागीं वेताले आनी आतां ते पाटीं येताले. यांत्रीक थरान या वासतव जावन हांव चिंतुंक सकानातल्लों.

एका क्षणाक तकली उबार्न जम्याचेर दीषट चरयली हांवें.

'ना, हांव शिर्कोन पडचोनां, हांव सत सांगीन तर इतल्या जणां मुखार म्हाका लज जातेली. ते सर्व रागान म्हाका मार्तेले, हांव तांचे मुकार चोर जातलों. ते म्हाका चोर म्हण वोलायतेले. तांच्या मारांच्या फारिकपणाक, म्हज्या अंतसकर्नाच्या कांतवणेक जिणिभर वळग जातलों. तांचे मार खावंक हांव सकचोंनां'.

म्हजे थंय मनशापण आसल्लें, वेळान तरी तें जागृत जाल्लें. पूण म्हज्या बचावे खातीर, म्हज्या मऱ्यादे खातीर हांवें मनशापणाची खून करुंक आसल्ली.

पूण ताकायी हांव असकत जाल्लों.

तीं असकत्कायेचीं चिंलां दांबून दवरुंक सकानासताना हांव धांवलों.

खंयसर!?

धांवोन धांवोन थक्ताना म्हजे मुकार रसतो उत्रोंक शेंबोरांनी लोक उबो आसल्लो, ट्राफीक पोलीस लोकाक उत्रोंक रक्षण दीवंक रावल्लो. वाहनां पाशार जांवचें खातीर सुमार मिनुटांचो वेळ आसल्लो.

म्हज्या हातांतली पोकेट हावें दांबून धरल्ली. इतली दांबून धरल्ली की ती चिर्डाल्ली. ताचे भितरले नोट मुदो जाल्ले. बहुशः पिंदल्ले जावंकयी पुरो.

म्हजे हात एकामेका बंधीत जाल्ले, मेकळे करुंक हांव असमर्थ जाल्लों, त्या ताळव्यां मधल्यान आसल्ली ती पोकेट म्हजीं नकलां कर्ताली.

हाडां मासा थावन विंगड जावन भायर येतात तशें भोग्तालें. गोमटाच्यो शिरो फुटोन 'बुस्स' कर्न रगात भायर उसळोन रसत्यार पडल्ल्याबरी आनी ताचे वयल्यान लोक पाशार जांवचेबरी दिसतालें, म्हज्या दोळ्यांच्यो आस्द्यो एकामेकाक अर्नोन, ताचे भितरले दोळे

भायर उसळतात तशें भास जातालें. दोळे घडियेन रगात भरोन तांबडे जाल्ले.

हांव वासतव संसारार नातल्लों!

सलवणेचें निमाणें हंत तें!

ती निषटूर, शिराप पडल्ली पोकेट हांवे भरल्ल्या रसत्यार उडयली. ताचें कोणेंयी गुमान करुंक ना, तें गुमान कर्चा तसल्या संसारार लोक नातल्लो आनी अवकासयी नातल्लो.

हजारांनी वाहनां थोड्याच वेळान पाशार जातालीं.

त्या दामाराच्या रसत्यार निराधारी जावन पडल्ल्या पोकेटी वयल्यान एक बस्स पाशार जालें. दुस्रें वाहन ती पोकेट घेवन आपल्या रोदां संगीं थोडीं मेटां मुखार व्हर्न सोडन गेली तर, तीसऱ्यान आयिल्ल्या ट्रक्काच्या रोदां पंदा पडोन रसत्या देगेच्या मोव डामारा भितर रिगली. हें कोणाकी कळीत नातल्लें.

पूण म्हाका दिसतालें.

दुबळ्या मनशाच्या घामांत आनी रग्तांत जोडल्ली कषटांची जोड आज भुंयच्या गर्भांत लीपल्ली.

आनी मुखार!?

आनी मुखार कितें जालें? आनी कितें जातेले तें पळेवंक थंयसर कोणी नातल्लें. हांगा पऱ्यांत!

कित्याक थंय हांव-हांव जावन नातल्लों.

म्हजी मत स्तब्द जाल्ली.

पूण म्हज्या दोळ्यांक दिसताली फकत ती पोकेट, विंगड कितेंच दिसानातल्लें.

पूण म्हजे कान आयकाताले त्या दुबळ्या मनशाचें अक्रंदन, लोकाचे चुर्चुरे, 'चोर, चोर' म्हळ्ळी कोशेडदाची बोबाट.

म्हजें तोंड उलयतालें, "देवा हांवे चूक केली, म्हाका भोगशी"

हांव पिसांतूर जाल्लों!

हांव धांवतालों... आनी धांवतालों. चिकार भरल्ल्या वाहनां मधें धांवतालों..

पूण ती म्हाका दिसानातल्लीं. वाहनांची कर्कस आवाजा मधें हांव शिर्काल्लों, पूण म्हाका आयकानातल्लें.

म्हज्या धांवणेक अंत्य नातल्लें, उद्देश नातल्लो, पुरासण नातल्ली.

पूण हांव धांवतालों,

जियेंवच्या खातीर या मर्चें खातीर!

या

जीवन्मरणा मधें झगडचा खातीर...!

*** – ***

(काणीक, १९८८)

Dear Ronnie,

Congratulations on publishing your story book.
I have always admired your work and I am very happy on your achievement.
I pray to almighty to give you all the best things you desire. Looking forward to read more and more interesting publications

Best wishes from
DOMINIC PINTO & FAMILYDUBAI

Best Wishes For Ronnie Monteiro On His First Book On Short Stories

From: Qatargas Friends
Haje Abdul Nisar Amooty & Fly
Mohammed Bakaar& Fly
Syed Atheeq & Fly

Congratulations And Wishing Many Successes

Ashfaq Ahmed Chilmi
Global Modern Kitchens
Citywalk Boarding & Lodging, Mangalore.

Dear Ronnie,
Congratulations on publishing your story book.
I have always admired your work and I am very happy on your achievement.
I pray to almighty to give you all the best things you desire. Looking forward to read more and more interesting publications

Best wishes from
DOMINIC PINTO & FAMILYDUBAI

Best Wishes For Ronnie Monteiro On His First Book On Short Stories

From: Qatargas Friends
Haje Abdul Nisar Amooty & Fly
Mohammed Bakaar& Fly
Syed Atheeq & Fly

Congratulations And Wishing Many Successes

Ashfaq Ahmed Chilmi
Global Modern Kitchens
Citywalk Boarding & Lodging, Mangalore.

चाबूक आनी हेर कथा

- रोनी मोंतेरो, कटपाडी

7605
Sh Stories Rev
RON

आशावादी प्रकाशनाचो बावेचाळिसावो बूक